मातयेचो मोग

शिवराम कारंत



239
239
A.U. NO:
271
N-7 Dev
YAS

एका घराण्याची- तीन पिळग्यांची ही काणी मनीस सभावांतलीं बारीक-सारीक कुसां उस्तीत कर्नाटकांतल्या दर्यावेळेवेल्या सैमान नटिल्ल्या सुपुल्ल्या सोबीत गांवांतली सुख-दुकांनी भरिल्ली जीण पावला कणकणी विणत गेल्या.

भोंवतणच्या गांवांत भटपण करपी राम ऐताळ हेर कश्टांचींय कामां करून बारीकसाणेन संसार चलयत, चार पैशे गांठीक बांदून चारचौगांत मर्यादेन जगत आसतना, शीनमय्या आनी तांचे मर्दी पेटिल्ले जिद्दीक लागून ते आपणाल्या एकल्या एकसुऱ्या पुताक- लच्चाक शिकपाक शारांत धाडटात. तो लच्चा थंयच्या वायट भुरग्यांच्या सहवासाक लागून व्यसनाधीन जाता, संसाराचो विद्धाट लायता आनी पशुतुल्य जीण जगता. ताच्या कर्माक लागून संसार तापत्रयाच्या हुलपान कंगाल जाल्ली तागेली बायल नागवेणी, सगळें बदीक वगडावन बसली तरी मांवान बांदिल्लें घर सोडिनासतना सांबाळून रावता. तिचो पूत राम शिकून सवरूनय शारांत बरी नोकरी मेळना आसून, मेळटा ती चाकरी करून कसोय दीस सारता आसतना, गांवांतल्या पोन्र्या घराचे पडिल्ले वणटीचे मातयेंत आज्यान पुरून दवरिल्लें धन मेळटा. बापायन विकून खाल्ली जमीन त्या पैश्यान परती घेवन राम आपणाल्या जाणटेल्यांचे मोगाचे गांव-भुयेंत सैमाचे कुशींत आशिल्ल्या आज्याल्या घरांत संवसार थाट्टा.

ही कादंबरी नामनेचे कन्नड साहित्यिक डॉ. कोटी शिवराम कारंत हांणी बरयल्या. यथार्थ सामाजिक जीण नदरे सामखार उबी करत वाचप्यांच्या काळजांक स्पर्श करून साबार व्यक्तिरेखा चितारपी डॉ. कारंत सिद्धहस्त लेखक आसात. तांचें अशे तरेचें प्रतिभापूर्ण साहित्य भारतांतल्या हेर जायत्या भासांनी अणकारिल्लें आसा. तांचे साहित्य कृतींक केंद्र साहित्य अकादमीचे आनी ज्ञानपीठाचे भोवमान फाव जाल्ले आसात.

Matyecho Mog (Konkani), Rs.120
ISBN 81-7201-036-2

मातयेचो मोग

Konkani in Devanagary Script - Novel.

KONKANI BHAS ANI SANSKRIT PRATHISTAN (R) Navarang Palace K.S. Rao Road Mangalore-1
239

L: B01 - R03 (Dev. N)

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पाकृती दिल्या. शिल्पांत तीन जोतिशी बुद्धभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुद्धोधनाक सांगतात अशें दाखयलां. शिल्पाचे सकयले वटेन एक बरोवपी तें सांगप बरोवन घेता. भारतांतले लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळयांत पुर्विल्ली नोंद आसुंये.

नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेंकडो, इसवी.
नॅशनल म्युझियम, नवी दिल्ली हांच्या बरेपणान.

मातयेचो मोग

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No. 239

बरोवपी
शिवराम कारंत

अणकारपी
यशवंत सदानंद पालेकार

साहित्य अकादेमी

Matyecho Mog (मातयेचो मोग) :
Konkani translation by Yeshwant S. Palekar of
Shivaram Karanth's Novel 'Marali Mannige'
Sahitya Akademi, New Delhi (1994) Rs.120

© Sahitya Akademi
First Edition : 1994

A,9H1 'N94

Published by
Sahitya Akademi

Head Office :
Rabindra Bhavan, 35, Ferozeshah Road, New Delhi - 110 001

Sales Department :
Basement in 'Swati', Mandir Marg, New Delhi - 110 001

Regional Offices :
172, M. M. G. S. Marg, Dadar (East), Bombay - 400 014
Jeevan Tara, 23A/44X, Diamond Harbour Road, Calcutta - 700 053
Guna, 304-305, Anna Salai, Teynampet, Madras - 600 018
ADA Rangamandira, 109, J. C. Road, Bangalore - 560 002

ISBN 81-7201-036-2

मोल : 120 रुपया

Printed by :
Omega Enterprises, 1158, Vidyanagar, Margao (Goa) 403 601

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000271
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
239
A,SHI 'N94

1

मार्गशीर्षांत पारोतीक चोविसावें वर्स सोंपलें आनी पंचविसावें लागलें.

तिगेलें हेविलंबी संवत्सरांत ज्येष्ठ म्हयन्यांत लग्न जाल्लें. तेन्ना असोच पावस लागिल्लो. मण्णूरचे नारायणमय्या हांगेली ती धूव. दर्यावेळेवेल्या आवाऱ्यार दोंगुल्ले कुशीक तांगेलें घर आसा. घरा भोंवतणी काजी आसात, घर सादें कोलवाचें. रंवूरंव व्हांवपी दर्यावेळेवेल्या वाऱ्यांत त्या घरान तग कसो धरलो कोण जाणा! अशा वेळार पारोतील्या लग्ना वेळची याद जावपाक जाय. मय्याक पारोती ही एकलीच धूव. तिगेलें लग्न दबाज्यान करपाक जाय म्हूण तांणी घराक तेंकून एक माटोव घाल्लो. वणटीक भायल्यान बांदिल्ले झड तेन्नाच काळे पडिल्ले. ते काडत जाल्यार घर बरें दिसतलें अशें दिशिल्ल्यान तांणी ते काडले. पूण चुडटां उडयलीं नात. तशींच एकार एक दाळून दवरिल्लीं. हीं चुडटां काडपाक आनीकय कारण आशिल्लें. मण्णूरचे सरभोंवतणच्या वाठारांत कोरगाली वाजंत्री गाजताली. धुवेल्या लग्नाक ती हाडपाक जाय. पूण चुडटां आवाजांत तें वाजप कशें आयकप? चुडटांच काडल्यार बरीं म्हूण काडलीं आनी तांचो आवाज बंद केलो. पूण घरा भोंवतणी चोंयवटेन कश्याकशेय वाडिल्ल्या माडांक आनी तलूट् माडांक तांचो शेंडो हालोवं नाकात म्हूण सांगप कोणें?

कोरगाक सुपारी दिवन तागेली वाजंत्री सांगून जाल्ली. लग्नावेळार चारय दीस शेनायेचे सूर वाजोवपी कोरगाकय तागेलें वाजप आयकूंक येतालें काय ना कोण जाणा! चारय दीस पावस आनी वाऱ्याचो झडमोडो. वारो म्हूण कसलो तो! विणिल्लीं मल्लां चार-चार पास घालून घट्ट बांदिल्लीं आसतनाय निमाणें माटवार वांशे मात उरले. तशें पळयत तर रातच्या वेळार लग्न करपाची थंयची रीत. पूण पारोतीलें लग्न दीस-उजवाड आसतनाच जाल्लें. म्हूर्त जातकूच जेवणा पंगत आशिल्ली. पूण असल्या पावसांत शेताचीं कामां तशींच दवरून कोण येत? भायर कोण सरत?

मय्याले धुवेक कोदंडराम ऐताळाल्या चल्याक दिवची केल्ली. तें लग्न कशें जाल्लें तें कोदंडराम ऐताळानच सांगपाक जाय. ते केन्ना केन्नाय "मगेल्या पुताल्या लग्नाक देवलोकांतल्यान वाजंत्री आयिल्ली" म्हूण म्हणटाले. बरें, ऐताळांक म्हूर्त धरपाक सामको ज्येष्ठ म्हयनोच कित्याक जाय आशिल्लो? ताजी जाप सामकी सोपी आसा. ऐताळ हे गांवचे पुरोहीत आशिल्ले. तांकां चाळीस पन्नासां परस चड घरांत भटपण करचें पडटालें. घरांतलें लग्न कार्य म्हळें नंतर तांकां सगळ्यांक आमंत्रण दिवपाक जाय. वैशाखांतच म्हूर्त दवरलो आनी दर एका घरांतले चौग-चौग जाणच जरी आयले तरी ते एक व्हड सैन्यच जातालें. भटावेल्या मोगान घरांतले सगळेच जाण भायर सरले जायत तर व्हंकलकारांची धांदळ कशी जायत ती सांगपाक जाता? त्या शिवाय घरांत देवकारें, घरभरवणी म्हूण जेवणा पंगत आसतलीच. तेन्नाय सगळेच जाण आयल्यार धांदळच जातली न्हय? हें जाणा जावनच शेतांत तरवो घालपाचो जुस्त वेळ सोदून तांणी म्हूर्त दवरलो. तोच म्हूर्त कित्याक पळयलो म्हूण कोणेंय विचारल्यार कोदंड ऐताळांक कारण सोदत बसपाची गरज नाशिल्ली.

तांगेले जिबेरच पंचांग आनी जोतीस शास्त्र घोळटालें.

तांगेलो अदमास चुकलो ना. ज्येष्ठ म्हयनो पावस घेवनच आयलो. तरवो घालपाचें काम सुरू जालें. 'हो दळभद्रो पावस केन्ना एक फावटी बंद जायत काय?' म्हूण लोक विचार करपाक लागले. पावसान दोळे म्हूण उगडले नात. एक सारको धारेन पावस ओतत आशिल्ल्या वेळार शेताकाम तशेंच उडोवन ऐताळागेर लग्नाक कोण येत? कोणूय जरी आयले नात तरी लग्ना दिबण वचपाकच जाय न्हय? ऐताळ, तांगेली घरांतली मंडळी, चार भोय, लग्नावेळार पदां म्हणपाक शेजारच्यो चार सवाशिण्यो, इतलेच लोक भायर सरले. सातें, कांबळ, परकाळो, जें मेळता तें घेवन भायर सरिल्लें हें दिबण वतना, वाटेर इंद्रदेवान जोगलां गडगडाट करून फोगय मारले. सुरसुरबाण, सुदर्शन, फोगोटी, गर्नाल सगळें तातूंतच आयलें. कसलेंच उणें पडलें ना.

पावस ओततना दिबण भायर सरलें आनी पावस ओतता आसतनाच तें माटवांत पावलें. देड कोसाचें अंतर वचपाक तांकां दोन प्रहर चलचें पडलें. पावसा वारें मारता आसतना भिजिल्ले रेंवेंतल्यान चलप सोपें न्हय. आंगावेलें खंयचे खंय पाविल्लें. हातांतल्यान सुटून चार-चार फावटीं सातीं उडिल्लीं. लग्ना घरांत पाव मेरेन ऐताळांच्या हातांत आशिल्ल्या पोंया सात्याचो दांडो मात उरलो. पावसान होळो केल्लो. जांणीं इल्लें घेतिल्लें तांगेले हात, पांय, पोट, मातें सगळें भिजिल्लें. फाटी वटेन मात भिजनाशिल्लें.

कोणाक आपयल्यार कोणाक आयकूंक येना. चार हातार उबो आशिल्लो मनीस नदरेक पडना. हांगा थंय फाफसल्ल्या गोरवांक एकठांय आंबुडटात तशें दिबणांतल्या लोकांक एकठांय हाडचे पडले. वाजंत्री सगळयां मुखार धांवत येवन चलेकाराल्या घरा पाक्यातळा रावले. मेणा सातें आशिल्ले गिरेस्तागेरचे कोणय दिबणांत आयले नात. पावसान दोळे उगडल्यार ऐताळागेरची घरभरणी येवपा वेळार गेल्यार जालें म्हूण ते लग्नाक येनासतना तांच्या तांच्या घरांतच रावले.

ऐताळांली पाद्यपुजा चलेकाराल्या घरा आंगणांत जाली. तशें पळयत तर ती घरा मुखाल्ल्या शेतांत जावपाची. पूण थंय दिंबीभर उदक जाल्लें. इतलेंच न्हय तर घरा मुखाल्लें आंगणय शेता भशेनच दिसतालें. माटोव तर उबून गेल्लो. तरी आसतना आसा ते परिस्थितींत दबाज्यान येवकार दिवपाचें शास्त्र जालें. दिबणकार एकमेकांक मेळळे. दिबणांतले लोक तीन अंकणावे चौकेर आयले. थंय अर्द जाग्यांत मंटप आशिल्लो. उरिल्लो जागो लोकांनी यो-वच केल्ल्यान पिचपिचीत जाल्लो. थंयच शेंदरेचेर म्हाणाय घालून तांचेर सोयऱ्यांक बसपाक सांगलें. भिजून थपथपीत जाल्ल्यान न्हवऱ्याकय होमखणाचो धग लागलो ना. तो धुंवर, तो वारो, ती पावसाची पिरपीर हेच लग्नाचे मंत्र, शास्त्र आनी पद जालें. लग्ना जेवणा पंगतींत लोक बसून जेवले काय उबे रावनच जेवले तेंय कळळें ना.

लग्नाचे चारय दीस अशेच गेले. सदां लग्ना माटवांतलें वचप-येवप पावसांतच जातालें. पयल्या दिसा दिबणा वांगडा आयिल्ल्यांतले अर्द लोकय निमण्या दिसामेरेन उरले नात. चवथ्या दिसा चलेकारागेरचें मानपान जातकच व्हंकलेक घेवन कोडीक वचपाक भायर सरले. पूण तांचें पावसाक कित्याक पडलां? चार भोय, न्हवरो, व्हंकल, आवय, बापूय इतलेच जाण घरभरणी दिबणांत आशिल्ले. तरी घरभरणी जालीच.

पावसान तशें न्हवरेकाराल्याय घराक सोडलें नाशिल्लें. त्या घरा कडसून थोड्याच

अंतरार एक न्हंय दक्षिणेवटेनसून दर्याक मेळटा. अस्तमतेक दर्या आसा. ती न्हंय उदेंते वटेनय व्हांवता. लग्न जाल्ल्या वर्सा दर्याक पिशांतक हुंवार आयिल्लो. तेवटेन मण्णूरांत पुतालें लग्न जातालें आनी हेवटेन दर्यान ऐताळाले सात आठ माड हुमटून उडयिल्ले. दर्या असो पिशांतक जाल्लो आपणें केन्नाच आयकल्लें ना म्हूण कोदंड ऐताळान जाय ते फावटीं उलोवनय दाखयिल्लें.

हुमरावेळें माप उडोवन नवी सूनबाय घरांत आयिल्ली. घरभरणी निमतान धा वैदिक बामण आनी थोडे सोयरे-धायरे आयिल्ले. सगळयांक खोस जाल्या हें दर्याक मानवल्लें ना जायत. वर्साक हजार भर नाल्ल दिवपी माड एकाच दिसांत व्हांवन गेल्ले.

हें सगळें घडिल्लें जाय त्या वर्सां मागशीं. आज ती सगळी गजाल पोरणी जाल्या. पारोतीन तिजें लग्न जाल्लें तेन्नासाकून कितें उणे अणभव घेतल्यात? ऐताळा वांगडा तिणें पंदरा वर्सां मेरेन संसार जो केलो, तो बरे-वायट दीस पळयले बगर केलो तर?

पारोतिल्या लग्ना उपरांत तीनच वर्सांत तिगेलो जाणटो बापूय नारायणमय्या भायर पडलो. आवय तर केन्नाच भायर पडिल्ली. त्या उपरांत दोन वर्सांतच कोदंडराम ऐताळय सोंपले. आतां घरा मालकीण तीच आशिल्ली. घर म्हळयार कितें? एक-दोन-तीन मनशां. पयले, जांचें नांव ती घेवपाक शकना ते तिगेले घरकार, कोदंड राम ऐताळालो एकलो एकसुरो पूत, राम ऐताळ. दुसरी ऐताळाली भयण सरसोती. भुरगेपणांतच घोव भायर पडिल्ल्यान ती कुळारा येवन राविल्ली. हांचे बगर घरांत दुसरो जितो मूसय नाशिल्लो.

पूण वेळ कसो काडप हो प्रस्न पारोतीक केन्नाच पडलो ना. भटपण करपाक ऐताळ भोंवत आसताले. तांगेलें दनपारचें जेवण चड करून भायरच जातालें. भटपण सोंपोवन ते घरा परतता मेरेन दनपारचीं चार वरां जातालीं. येतना ते तांदूळ, नाल्ल, शाकभाजी वो आनी कितेंय तरी हातांत घेवनच येताले. तें सगळें सकल दवरून हत-पांय धुवन चौकेतेले तांबडे जमनीर ते आडवे पडटाले. घटको भर घोरेताले. उपरांत उठून, तोंड धुवन, गांवावयल्यो उसाबऱ्यो उसतुवपाक वताले. घरा येवपाक एकेक पटी मध्यानरातय जाताली. दनपारचें जेवण शेंवटून जाल्लें आसत तर भायर वतनाच ''पारोती, आज रातीं जेवपाचो ना, कळळें मूं?'' म्हणप. मात्यावेल्या पदराची सरसोती; ती रातीं ज़ेवनाशिल्ली. भिजयिल्ले फोव वा तशेंच कितें तरी खावन ती फळार करताली. अशे वेळार पारोती रांदपाचे भानगडेक वचनाशिल्ली. ''सगले जाण एक वेळच जेवतात; म्हाका कित्याक एकटेकच दुसरें जेवण जाय?'' अशें म्हणटाली आनी कसो तरी वेळ काडटाली. केन्ना केन्नाय सकाळचें उरिल्लें शीत उदाकान कालोवन पोटांत धुकळटाली. तिळसांज जाली तशी हातांत जपामाळ घेवन ''शिव, शिव, राम, राम'' म्हणत बसताली आनी थंयच न्हिदून पडयाली.

रातीं चड वेळान ताकतिकेन घरा येवपी ऐताळ आयल्यात म्हूण तिका कांय वेळार समजतालें वा समजनासतनाय आसतालें. ''केन्ना आयले?'' म्हूण विचारपाचीय तिका संवय नाशिल्ली. जपाक बसतनाच तिका झेम येताली. आड पडटा म्हणसर थंयच न्हीद लागताली. लागींच एक सुद्रालें घर आशिल्लें. ताका लागून कांय वेळार अनवाळपणाक बादिकार येताले, पूण तांगेल्या कुकडांचो उपयोग जातालो. सकाळीं तांच्या कोंब्यान साद घालतना नणंद आनी भावज जागीं जातालीं. लेपा आयदनां, पंचपात्र बी घांसतालीं. कोयर शिताडो जालो तसो उसरपत घेवपाक वेळ मेळटालो. तो वेळ मेरेन सकाळ जाताली.

गोठ्यांत बांदिल्लीं गोरवां तन्न पिवपाचो वेळ जाल्ल्यान हांबेतालीं. आदल्या दिसा शीत वाळटना काडिल्ल्या निवळांत तणा-कुडके, कुंडो आनी घरांत उरिल्लो रोस बी घालून शिजयलें तशें धोण तयार जातालें. तें गोरवांक पिवपाक दिवन वयर थोडें उदाक पिवपाक घालें तशें दूद काडपाचें काम सुरू जातालें. एक ना एक गाय दूद दितालीच. अशें अर्द शिदें दूद मेळटालें. ताका लागून घरांत गोरवां आशिल्ल्याचें समाधान मेळटालें. तें दूद देवा निवेद्याक जाय जातालें. तें मेळना जायत तर देवाक दुदा बगर निवेद्य दाखोवचो पडटालो. दूद काडून जालें तशें गाय, वासूर आनी हेर दूद दिनाशिल्ल्याय गोरवांक आवाऱ्यांतल्या दोंगरार चरपाक सोडप, गोठो झाडप आनी शेणबीण काडून तें शेणा-गायरेंत उडोवप, अशीं सकाळचीं कामां सोंपतालीं.

उपरांत पारोती शेता कामाक लागताली. वांगडा कोण कामाक आयल्यारय जाता, ना आयल्यारय जाता. तिजें काम चलत आसतालें. घराभायलींय कामां त्या वेळार ती करताली. हीं कामां पावसांत एके तरेचीं आसतालीं जाल्यार हेर वेळार दुसरे तरेचीं आसतालीं. ऐताळागेर जळोव हाडपाचो प्रस्न चड म्हत्वाचो आशिल्लो. घरा भोंवतणे पोरसांत काज आनी उंडीझाडां पोंदा पडिल्लो पत्रो, काडयो आनी बडयो सान्नीन झाडून एकठांय करच्यो पडटाल्यो. ना जाल्यार कोणय पुंजावन घेवन वताले. रांदनींत घालपाक तो बरो जातालो. गोठ्यांत गोरवांच्या पांयांपोंदा पालो घालो जाल्यार तो कुसता. तो शेणा गायरेंत घाल्यार बेस बरें सारें जातालें.

जळोव पुंजावपाचें काम वर्सभर आसतालें. पूण पावसाळयांत त्रास जातालोच. रांदनींत ओलीं लाकडां, भिजिल्लो पत्रो बी घाल्यार घरभर धुंवर जातालो; दोळे चुरचुरताले. सरसोतीले दोळे तर सदां दसणे भशेन तांबडे जाल्ले आसताले. त्या दोळयांक केन्नाच मोगरेचो धवो रंग आयलो ना. पावसाळया दिसांनी दर्यारायान उपकार केल्यार मात स म्हयने पुरो जावपा इतलो जळोव एका म्हयन्यांतच पुंजावन जातालो. पूण हें दगदगाचें काम. जळोव पुंजावपी गांवांतलीं हेर घरांय आसतालीं.

राम ऐताळाल्या घरा दक्षिणेक न्हंय दर्याक मेळटाली. थंय समुद्रांत पांय दवरप म्हळयार यमा तोंडांत वचपा इतलेंच घातकी काम आशिल्लें. पैसुल्ल्या रानांतल्यान व्हांवत येवपी न्हंय पावसा दिसांनी लाकडाचे कुडके आनी झाडां घेवन येताली. तीं लाकडां पुंजावन घेवन येवप म्हळयार खेळ न्हय. ताजे खातीर न्हंये तोंडाकडसून उत्तरेक दोन मैल मेरेन दर्या वेळेवयल्यान भोंवत वचपाक जाय. थंय मेरेन लाकडां व्हांवत वतालीं. ते सुवातेर उदकाचो जोर चड नासतालो. समुद्रांत झाडाचो कुडको वा खांदो नदरेक पडलो रे पडलो, सट्ट करून उदकांत बुडी मारून पाळांचेर तरंगत तो धरपाक जाय. थोडो वेळ जायत तर तो लाकडा कुडको वेळेचेर येवन पडटालो आनी थंय आशिल्लीं भुरगीं वा बायलां धांवत येवन ताका हात लावन "म्हजो, म्हजो" म्हूण बोबाट मारत घेवन वतालीं. जे उदकांत वचून लाकडां धरतात तांकांच तीं चड मेळटालीं. असल्या कामाक पारोती परस सरसोती चड धीट आशिल्ली. ऐताळय लाकडां पुंजावपाक येताले. तिगांनीय मेळून हें काम केल्यार म्हयन्याचें काम फकत पंदरा दिसांत सोपोवंक येतालें.

एक दीस तर मजाच जाली. सक्काळीं उठून ऐताळ दोगांकय घेवन समुद्रा वेळेर गेल्ले. चाळीस पन्नास लोक थंय पयलीं येवन पाविल्ले. न्हंयेक हुंवार येवपाचे ते दीस आशिल्ले.

लाकडां तेन्नाच व्हांवत येतात. पावस वारेय तेन्ना जोरांत आसतात. दिंबी भर उदकांत रावन बारीक नदरेन लाकडां येतात काय म्हूण तेळत आसतना, शंभरेक हात अंतराचेर कितेंय तरी व्हडशेंच व्हांवत येता अशें दिसलें. ऐताळान उदकांत उडी मारली. पोंवत वचून हाताक जें लागलें ते तशेंच घट्ट धरून ते परत आयले. एक गाडीभर तरी जळोव जातलो असो ऐताळान अदमास केल्लो. पुण वेळेर हाडून पळय जाल्यार तो एक मेल्लो रेडो आशिल्लो. तांणी खांदो म्हूण जो धरिल्लो तें रेड्याचें शिंग आशिल्लें. भोंवतणचे लोक तें पळोवन हांसपाकच लागले. पारोतीकय हांसो थांबोवपाक जालो ना. ऐताळ थंय ओगी रावले. पूण घरा पावतेरेर मात राग भायर काडलो. उपरांत तीन म्हयने मेरेन ती याद जावन पारोती दोळ्यांत दुकां गळयताली.

अशे तरेन जळोव पुंजावपाचें काम चलतालें. एक दोन पटी तर पारोती आनी सरसोती उदकांत व्हांवत खूबच पैस पाविल्लीं. ऐताळान वचून तांका ओडीत हाडचें पडिल्लें. पूण मरणा भंयान कितें करपाचें कोणें सोडिल्लें आसा? लाकडां, ताळयो, बडयो बी जमोवन घरा व्हरप आनी वतांत सुकोवप. मळब काळें जावन आयलें अशें दिसलें तशें तो सगळो जळोव एकठांय करून धांपून दवरचो पडटालो. गिमांत हो प्रस्न नासता. पूण पावसांत करप कितें? ज्येष्ठ-आषाढांत वत येतलें कितलें आनी लाकडां सुकतलीं कितलीं? मागीर तो ओलो जळोव रान्नी कुशीक दवरून सुकोवचो पडटालो. सांगपाचें म्हळयार तो ओलो जळोव जळोवनच पावसाचे दीस सारपाक जाय आसले.

मण्णूरांत कितें आनी कोडींत कितें, जांचे कडेन रान ना तांणी असलो ओलो जळोव जळोवनच दीस धुकळपाक जाय. बायलांचे दोळे चोयल्यार कोणागेर कसले तरेचो जळोव आसा तें सहज सांगपाक जाता. हें जाणा जावनच नारायण मय्यान आपणाले चलयेक दर्या वेळेवेल्या सकयल्या गांवांत दिवचें न्हय म्हूण थारायिल्लें. उदेंते दिकेन घांटारच दिवचें अशें ताका दिसतालें. थंय धुवेक जळवाचो त्रास जावपाचो ना म्हूण तांचें मत आशिल्लें. वड्डसर, वेळूर ह्या खंयच्याय तरी गांवांत आपलो जांवय जल्माक आयला अशें ते सपनां रंगयताले. पूण पारोतील्या नशिबांतलें खारें उदक मात चुकलें ना. मण्णूर साकून ती कोडीकच पावली.

घर म्हळें नंतर जळोव एक मेळ्ळो म्हूण जायना. तितल्यान रांदप जायना. सुदीर आसत तर सावदां-बिवदां वा नुस्तें-बिस्तें बी हाडून रांदपाक जाता. पूण बामण जातींत जाल्माक आयिल्ल्यान फकत शाक-भाजी खावनच मरपाक जाय म्हूण नशिबांत बरयलां. ती पोरसांत रोयले बगर जाता? ऐताळांच्या भटपणाक लागून नाल्ल, तांदूळ बी गरजे पुरतें येतालें. केन्ना केन्नाय शाकभाजीय आसताली. पूण ती कसली जाणात? जून तवंशीं! संसार पाडवो ते दसऱ्या मेरेन सदां तवंशींच तवंशीं! खांब्याक, खुंटेर, दांडेर खंय म्हूण जागो मेळटा ते सुवातीर तवंशींच बांदिल्लीं आसतालीं. सदां तेंच खावन आंगार कांटे येताले. तें सोंसना जावन नणंद आनी भावज खूब त्रास घेवन घरा उदेंन्तेक आशिल्ल्या शेताक कुळिदा रोपां हुंमाशिल्ल्या दुसऱ्याच दिसा, माते धिकळे एकाचेर एक दवरून चारीवटेन आडे घालतालीं. आडे घट्ट जावपाक दोन धिकळयांमदीं चिखला मातीय मारतालीं. अशे आडे घालना जायत तर गोरवां तोंडांतल्यान कितेंच उरपाक शकना. असलीं कामां करपाक नणंद आनी भावज एकापरस एक मुखार आसतालीं. गरज पडत तर सरसोती खोरें घेवन खणपाचेंय काम करताली.

एक पटी आडे घालपाचें काम पूर्ण जालें तशे चर काडून भाजी, वायंगण, भेंडे, घोसाळीं, पडवळीं, मिरसांगो हांचें बीं रोयतालीं. रोपे मेळत तर बरें आसा. जमीन भुसभुशीत करून तीं रोवन सोडटालीं. माती, गोबर, शेणय घालतालीं. थंयच पोरसा कुशीक एक फोंड आशिल्लो. तांतलें उदाक घालतालीं. हीं कामां चड करून सांजे जातालीं. उमाशेक-पुनवेक म्हणटात तशें केन्नाय तरी ऐताळ बायलेक आनी भयणीक आधार दिवपाक येताले.

ऐताळांक सकाळीं वेळ मेळनाशिल्लो. दांत घांसपाक तांकां आंब्याचीं सोळा पानां लागतालीं. दांत घांसून घांसून पानां सगळीं झर मेरेन ते दांत घांसताले. उपरांत तीं उडोवन घोंट घेवन पोशे भरभरून तोंड धुयताले आनी घरा मुखारल्या तळ्यांत न्हावपाक वताले. उदेंन्तेक तोंड करून नाक धरताले आनी उदकांत बुडून वयर येताले. उपरांत हातान खसखशीत आंग घासपाचें आनी तोंडान मंत्र म्हणपाचें काम एकाच वेळार चलतालें. "शुक्लांबरधरं विष्णु" साकून "आकाशात् पतितं तोयं" मेरेन मंत्र जाले तशे जप सुरू करताले. खंय पर्यंत पावलां तें मदेंच विसरत तर ते सुरवेसाकून परते म्हणपाक लागताले. एकशें आठ फावटी गायत्रीमंत्र, एकशें आठ अष्टाक्षरी, एकशें आठ पंचाक्षरी हें इतलें जावपाक जाय. त्या उपरांत ते उदकांतल्यान भायर सरताले. ओलो परकाळो न्हेसून देवाकुडींत वताले. तो वेळमेरेन उजवाड जावन एक पार जाल्लो आसतालो. घर सगळें सारोवन, पोरसांतलीं कामां सगळीं सोंपोवन, ताकतिकेन न्हावन पारोती देवा निवेद्या खातीर तांदूळ भिजोवन दिताली. ऐताळागेरचो देव तसो बरो. ताका निवेद्याक भिजयिल्ले तांदूळच पुरो जाताले. शीतच जाय अशें कांय नाशिल्लें.

देवा पुजा सोंपोवन ऐताळ भटपणाचीं वस्त्रां आंगार चडोवन ताकतिकेन भायर सरताले. कंबराक गुटलायिल्लो एक परकाळो, तकलेक गुंडाळिल्लो पाचव्या रंगाचो मुटको, गळयाक एक ल्हान रुद्राक्षामाळ, हातांत पोंयासातें इतलें आसतालें. तांकां भटपणाचें काम आशिल्ल्या दिसा पारोतीचें बरें आसतालें. रांदपाचो बोवाळ ना. शीत सावकास जातालें. सवडीन जेवण जातालें. पूण भटपण नाशिल्ल्या दीसांनी मात पारोतीची धांदळ जाताली. निवेद्या खातीर भिजयिल्लो तांदूळ आयदनांत पडचे पयलींच ऐताळांक जेवपाची गडबड जाताली. रगड्या वात्याचो आवाज आयलो रे आयलो, "आज कसले व्होड जेवण आसा सायबा!" म्हणटाले. फोण्ण घाल्लो वास आयलो रे आयलो, माणाय आनी उदाक घेवन बसताले. वाडपाक वेळ आसा अशें दिसल्यार "काल दनपारा जेविल्लों तेन्ना सप्तकाचो भूस मारून आयलां म्हूण केल्यात काय कितें?" म्हूण गौजी घालताले. हें जाणा जावन भटपण नाशिल्ल्या दिसा सरसोती भावजेल्या कामाक हातभार लायताली. ती आसत जाल्यार भावालो आवाज चडनाशिल्लो. "जेवपाचें जालें?" म्हूण ते ताकतीक करपाक लागल्यार "अण्णा, फाटल्यान जरा पोरसांत वचून पळय, गोरवां आयल्यांत जायत." म्हणटाली.

दनपारचें जेवण जालें तशें परतून घरांतलीं कामां आसतालीं. भायलींय कामां आसतालीं. संसार म्हळे नंतर कामां म्हूण उणीं आसतात? वत मोव जालें तशें गोरवांक शेतांत भोवंडावपाचें आसतालें. गजनी उदकांत वांकून चिखोल काडून तो व्हांवोवन शेतांत घालपाचें काम आसतालें. तेंवूय काम जाल्लें आसत तर वांयगण शेताक तोटीन उदाक घालपाचें काम आसतालें.

हीं कामां जाता म्हणसर सूर्य बुडटालो. चरपाक गेल्लीं गोरवां परततालीं. वासरान पान्याक तोंड लावचे पयलीं चार थेंबे दूद काडपाक जाय. तांकां दोणीकडेन आसतनाच धोण घालपाक जाय; उदाक दिवपाक जाय. परतून न्हावन अनवाळयान देवाऱ्यांतली काश्याची दिवली पेटोवपाक जाय. उपरांत राती कितें रांदप हाजो विचार करचो पडटालो. पारोतीलो दीस अशे तरेन सोंपतालो. सरसोतीचोय दीस तसोच सरतालो. लग्ना उपरांत न्हावपाक लागतकच जेन्ना घोवा घरा रावपाक आयली तेन्ना साकून पारोतीलो दीस असोच सरतालो. तशी ती कुळाराय वताली. थंयय अशेंच काम. थंय बापायन आनी धुवेन काम करप, हांगा नणंद आनी भावजेन काम करप, इतलोच फरक. केन्ना केन्नाय ऐताळय कामाक हातभार लायताले; पूण तांचो नेम नासतालो. "तितलें तरी करतात!" पारोती लक्तुबायेन म्हणटाली.

ह्यो सगळयो फाटल्यो यादी. त्या दिसा न्हंयचें उदाक चडिल्लें. पैसल्यान ती तें पळयताली. फाटल्यान सांवळे भशेन नणंद आशिल्लीच. एकसारकी पावसाची धार ओतताली. न्हेशिल्लें कापड आंगाक चिकटल्लें. थंडेन कुडकुडो येतालो. तरी तीं हात गुटलावन उबीं राविल्लीं. त्या दोगींनी एकमेकांच्या तोंडा कडेन पळयलें. न्हंय वटेनय चोयलें. पूण कोणच उलयलीं नात. जाय तो वेळ असोच गेलो. निमाणें सरसोती बेजारली आनी घरा वचपाक लागली. "वचया गे पारोती" तिणें म्हळें. "कितें बाये उदाक हें! तरोव सगळो कुसून सारें जाता म्हणसर हो हुंवारो देंवचो ना दिसता." पारोतीन उद्गार काडले.

अशे तरेचो पावस परिधावी संवत्सरा उपरांत केन्नाच पडलो नाशिल्लो खंय! दर वर्सा तांगेल्या घरा फाटल्यान न्हंयचें उदाक भरतालें आनी देंवतालें. लागींच न्हंयें तोंडार दर्या आशिल्ल्यान ताजें तशें कांयच दिसनाशिल्लें. जशें जोरांत उदाक येतालें तशें जोरांत तें वतालें. पूण ज्येष्ठ म्हयन्यांत मात असो हुंवार केन्नाच आयलो नाशिल्लो. तरवो लायल्या उपरांत हुंवार येवन देंवतालो. पूण त्या वर्सा रोवपाकय फुरसद मेळना जाली. शेत खंय सोंपता आनी न्हंय खंय सुरू जाता तेंच कळना जाल्लें.

समुद्रा वेळेवेली रेंव न्हंयच्या एक पाट्यान बुडयिल्ली. दुसऱ्या पाट्यान उदेंन्तेची वाटच बंद केल्ली. न्हंये पलतडेन वचपाक पांय तळाक लागनाशिल्लो. व्हडेंय व्हरपाक जायनाशिल्लें. तितली आकांताची जोरगत आशिल्ली. सकाळीं पुजेखातीर ऐताळांक न्हंये पलतडेन वचपाचें आशिल्लें. तीन-तीन पटीं ते न्हंये देगे मेरेन वचून आयले. "हांव कांय पलतडेक वचना. मरपाचें आसा काय कितें म्हाका?" तांणी म्हळें. त्या दिसा नागप्प होळ्ळाले वर्सातीक आशिल्लें. भटपण करपी भट पावलो ना म्हूण म्हाळ मुखार धुकळपाक जाता? "तशें न्हय म्हळयार, आज वर्शिक आसा, नागप्प होळ्ळालो आत्मो येवन उपाशीं तळमळचो ना?' म्हूण पारोतीन घोवाक शिटकायलें.

ऐताळांक दुसरी वाटच ना जाली. निमाणें तांणी सगळें अवसान एकवटावन "हांव आतां उदकांतल्यान वतां.' म्हूण म्हळें. मात्याक बांदिल्लो मुकटो घेवन तातूंत पचपात्र बी गुटलावन तें सगळें कमरेचो ल्हान परकाळो सोडोवन तातूंत घट्ट बांदलें. उत्सवम्हूर्त व्हरतना ताजेर जशें छत्र धरतात तशें पोंयासातें मात्यार घेवन सदां जंय पांयवाटेन न्हंयंतल्यान वतात थंय ते पावले. घोव न्हंयंतल्यान वता तें पळोवन पारोतीलो जीव सामको गळ्याक पावलो आसत! शंभरेक पावलां मेरेन दिंबे इतलें उदाक आशिल्लें. उपरांत कांट्यांची झोपां

आशिल्लीं. "झोपांतल्यान तांकां वाट दिसत काय?' म्हूण पारोती चिंतेस्त जाली. दोनूय वटेन उदका वयर दिसपी झोंपांच्यो ताळयो पळयत ते मुखार वचपाक लागले. कारण दोनूय वटेन आशिल्ल्या झोंपांमदल्यान ती पांयवाट वताली. पांय मुखार दवरचे आदीं तांणी चार चार पटीं विचार केलो. "सालीग्रामचो नरसिंव राखतलो" म्हूण म्हणत ते उदकांतल्यान चमकताले. न्हंयेचें उदाक वयर चडत कंबरा मेरेन, पोटामेरेन, हड्ड्या मेरेन उपरांत गळ्या मेरेन पावलें. कारण नासतना पेंवतल्या भशेन ओगीच तांणी हात हालयले. मात्यार आशिल्ल्या सात्याक लागून जांवये, वाऱ्यावांगडा न्हंये तोंडा वटेन वचपाचे ते वयले वटेन पावले. तशें जायना जातालें तर ते हंगारकट्टे वा तोन्सेंत खंय तरी व्हांवत वचून पडटाले जावंये. "वरुण देवा मुखार मनशालें कितें चलता?" म्हूण तांकां तेन्ना दिसले बगर रावलें ना.

तशें पळयत तर ऐताळ तशें बाबत कूळ न्हयत. काळाचे पेंवपी. पूण तांणी पेंवपाचो यत्न केलो ना. पेंवले जाल्यार मात्याक बांदिल्लो नवो मुकटो खाऱ्या उदकांत भिजतलो आशिल्लो. तशें जाल्यार तीन रुपया फुकट गेल्ल्या भशेन जातालें. नागप्प होळ्ळालीं चोरडां ताजी भरपाय करून दितलीं काय कितें? देकूनच ते न्हंयत पेंवले नात. ते चमकतच गेले. कशेंय जावं, ते निमाणें पलतडेक पावले. पूण तांची सदांची वयर वचपाची वाट पांयाक लागना जाली. चोंय वटेन कांट्या झोपां दिसतालीं. सदां परस चार पांच हात सकल पावलों आसन म्हळ्ळया अदमासान ते कांटे आंगाक तोपून घेत पांय पोरशीत उत्तरे दिकान गेले. निमाणें वाट पांयाक लागली. "हात्, असल्यो हजार न्हंयो हुपन!" म्हणत ते मुखार चलपाक लागले. सांज मेरेन उदाक अशेंच चडिल्लें उरत तर राती घरा वचप ना म्हूण तांणी तेन्नाच थारायलें.

न्हंयचे पलतडेन पावन शेता बांदार ते पाव मेरेन आलतड साकून नणंद आनी भावज दोळयांत जीव घेवन तांकां पळयत आशिल्लीं. "उदाक अशेंच उरलें जाल्यार थंयच रावपाचें." म्हूण तांणी आड्डून म्हळें. तसल्या पावस-वाऱ्यांत तांचें आड्डप कोणाल्या कानांत पडत? ऐताळान मागशीं घुंवन पळयलें लेगीत ना.

○

2

राम ऐताळ न्हंयचे पलतडी पावन दोळ्यां आड जा मेरेन तांचे कडेन सरसोती पळयत रावली. उपरांत बेजार येवन ती घरांत गेली. पूण पारोती मात थंयच उबी राविल्ली. घोव परतून घरा केन्ना पावत वा कसो येत हाजी तिका तशी चड काळजी करची गरज नाशिल्ली. पूण शेताचें कशें जातलें म्हळळोच तिका हुसको जातालो. हें हुंवाराचें उदाक अशेंच उरलें जाल्यार कशें जावप म्हूण ती चिंतताली. मागीर वर्सभर खावप कितें? संसाराचो सगळो भार तसो पळयल्यार राम ऐताळा परस पारोती आनी सरसोतीरच चड आशिल्लो म्हळयार अतिताय जावची ना. राम ऐताळ तशें थोडे भितर समाधान मानपी. भटपणाक लागून तांकां शेताकडेन लक्ष दिवप जमनाशिल्लें. पूण पारोतीक मात घरची सगळी जापसालदारकी आपणाल्याच मात्यार आसा अशें दिसतालें. तांतले तातूंत जेन्ना पावसाळो सुरू जावन चोंयवटेन उदकाचे पाट व्हांवपाक लागतात, तेन्ना तिगेल्या दोळ्यां सामखार फाटल्यो गजाली उब्यो जातात आनी ती विचार करपाक लागता. तिगेलें लग्नय भर पावसाळयांत जाल्लें. ते उपरांतचे सगळे पावसाळे तिका याद आसात. तिगेल्या संसारांत घडिल्ल्यो सान-व्हड घडणुको, ज्यो यादींत उर सारक्यो आशिल्ल्यो, त्यो चड करून पावसाळयांतच घडिल्ल्यो. पावसाचो जोर जेन्ना चड आसता तेन्ना तिगेले जिणेंत चड त्रासाचें कितें तरी घडत आसता हें ती अणभवान जाणा जाल्ली. हें अशें कित्याक घडत आसता म्हळो तिका प्रस्न पडटालो. "मनीस जल्माक येवन आपणालो उपयोग कसलो जालो?" अशें तिका केन्ना केन्नाय दिसतालें. थंय उबी आसतनाय तिजे सामखार परतो तोच प्रस्न उबो जाल्लो. रात दीस म्हणनासतना काम करप, शेत रोवप, तरवो लावप, संवसाराची सगळी काळजी करप आनी देहाचीं दणडणां सोंसप हातुंतल्यान देवालें नांव घेवपाक धड फुरसतय मेळना. तोंडान जरी देवालें नांव घेतलें तरी मन एक कडेन आनी तो देव दुसरे कडेन अशें घडटा! 'हें दिसता आसतना हो सगळो नसतो उपद्व्याप कित्याक करप?' म्हळो विचार तिका येतालो. विचार करतां करतां ती निराश जाताली आनी संवसाराची तिका वीट येवपाक लागताली. हेर बायलांक जाता तशें आपणाकय एक भुरगें जावचें अशें तिका दिस. पूण तिगेली ही इत्सा तशीच उरल्या. आपणें 'वांझ बायल म्हूण मरचें?' म्हळो विचार तिका परतु-परतून येतालो आनी तिका आपणाले जिणेचोच कंटाळो येवपाक लागतालो. जीवच नाका असो दिसतालो. न्हावपाक लागली तेन्नासाकून तिगेली आवय जावपाची इत्सा आशिल्ली. ती एकच इत्सा अजून तशीच उरिल्ली. सुरवेक ती आवयपणाचीं सपनां रंगयत आसताली. पांच स वर्सां तशींच गेलीं. उपरांत सुचता त्या देवाक सांगून बी घेतलें. अशें करत आनीक धायेक वर्सां सोंपलीं. निराशेन ती वैतागली. आदल्या जल्मांत केल्ल्या पातकाचें फळ आपूण ह्या जल्मांत भोगतां काय अशें तिका दिसतालें. जांकां तिणें नागड्यो भोंवतना पळ[illegible]ल्लें त्यो शेजाऱ्यागेरच्यो चलयो आपणाल्या भुरग्यांक मांडयेर घेवन खेळयताल्यो हें ती जायतीं वर्सां पळयत

आयल्या. हो संवसार म्हळ्यार एक नरक खरो, पूण पोटांत जाल्लें भुरगें हांसतना पळोवन ह्या नरकांतय समाधान मेळोवपाक जाता न्हय? पूण हें तिगेल्या नशिबांत ना जाल्लें. किट्टप्प मय्याली धूव खरें म्हळयार तिजेच पिरायेची. तेरा वर्सां पिरायेर ती न्हावपाक लागिल्ली आनी दुसऱ्याच वर्सा आवय जाल्ली. आतां तिगेली धूव आवय जावपाक आयल्या. आपणाली होंट तशीच्च उरल्या; थंय झर फुटना. ह्या विचारांत घुंवत ती थंयच उबी आशिल्ली.

बरें, तिणें अशा वेळार आपल्या काळजांतल्यान भायर सरपी माये-मोगाचो शिंवर करचो कोणाचेर? ऐताळांचेर? ते तर दीसभर घरांतच उरनात. उल्लेय जाल्यार बायलेकडेन खबरी मारप तांकां बरें दिसना. दादल्यान गंभीर दिसपाक जाय अशें तांचें मत आशिल्लें. ही दिसा-उजवाडाची गजाल जाली. रातचे म्हणशात तर दीसभर वांवट काडून पुरो जाल्लो जीव शेंदरेर पडटा म्हणसर न्हिदून पडटालो. अशे तरेन घोवाकडेन मेकळया मनान धड उलोवपच ना, थंय हांसप-बिसप आनी मस्कऱ्यो-बिस्कऱ्यो करप तर विचारचेंच नाका. रीत-रिवाज, मान-मर्याद, शिस्त-मुलाजो बी ध्यानांत घेवन मोग-उमाळो उक्तो करपाक जाय न्हय? पूण तें तितले पुरतेंच घडटालें. हे वटेन सरसोतीय घरांत आसा. पूण तिणें जल्माक येवन पळयलें तरी कितें? पारोतीक तिगेली काकुळट दिसताली. तिजेविशीं आपलेपणय आशिल्लें. अशें म्हूण तिजी अपुरबाय करपाक जाता? मागीर पारोतीन आपणाले भावनेक वाट मेकळी करून दिवपाक कोणाचेर मोग करप? तांगेर एक गाय आशिल्ली. निवेद्य करपाक पुरो तितलें ती दूद दिताली. तिजे कडेन कितलेंय उलयलें तरी पारोतीक समाधान जाय नाशिल्लें. गायेल्या पाडकाचेरय ती माया करताली. गोपी कडेन एकटीच उलयत बशिल्ली आसतना एकेक पटी थंय ऐताळ पावताले. येद्या व्हडान ती कोणाकडेन उलयता म्हूण ते वांकून पळयताले. "हिका उलोवपाक मनीसच जाय म्हूण ना; खंयचेंय वासरूं वो खंयचीय वणत मेळ्ळयारय चलता" ते म्हणटाले. म्हणचे म्हूण ते म्हणटाले अशें मात न्हय; तांकां ती बोदरोळू कशी दिसताली म्हूण ते वायट दिसून तशें उलयताले.

गोपी आतां मेरेन पांच पटीं वियेल्ली. सगळीं वासरां तिणें ल्हानाचीं व्हड केल्लीं आनी गोठ्यांत जागो नुपुरो जाता म्हूण कोणाकोणांक दिवनय उडयिल्लीं. आतां हें गोपीचें सवें वीत. होवूय पाडोच; पाडी न्हय. तो आतां देड वर्सांचो जाला. गोपी आतां थोडेंच दूद दिताली. देवा दयेन तिजी आनीक दोन वितां जातीत. पूण ह्या पाड्याचें आतां करप कितें? तो आसा म्हूण ऐताळान एका बैलाची गाडी घेवप? तशें पळयत तर गोपीलें नशीबच अशें. तिका पाडी केन्नाच जाली ना; जाले ते सगळे पाडेच. ऐताळान खंयच्याय पाड्याक वर्सा परस चड दीस घरांत दवरून घेतलेंच ना. ह्या पाड्याक मात देड वर्स जावनय घरांत दवरिल्लो. बायलेक बेजार आयल्यार उलोवपाक कोणय जाय न्हय, म्हूण. पूण ताका आनीक कितले दीस पोसप? तांगेलो मुंडकार सुरप्पा. ताणें कांय दीस पैलीं तो पाडो दितात जाल्यार चार रुपयांक दियात म्हळें. ऐताळान पारोतीक "तो पाडो सुरप्पाक दिवन उडोवया. तुगेले गोपीक पाडी केन्नाच जायना. पाडो पोसून आमकां कितें बैलांगाडी घेवपाची आसा? मागत आसा; ताका ना कशें म्हणप? फाल्यां कसपाक जाय जाल्यार ताणेंच रेड्याक हाडपाक जाय न्हय?" म्हळें. त्याच दिसा सांजे वेळार सुरप्पा आयलो आनी पाड्याक घेवन गेलो.

अशे तरेन गोपीलो सवोय पाडो गेल्लो. आपणे एक पाडो घेतलो तसो जोताक आनेक पाडो सोदपाक सुराप्पा लागता. पाड्यांची सारकी उस्तवारी करचे पयलींच तांकां एक खेप जोताक बांदपाची ताका उमळशीक लागता. पूण ती जोडी टिकप कठीण. मुखाल्ल्या तीन वर्सांत स पंटीं तें जोत बदलत वता आनी निमाणें तें नाच जाता. ना जाता म्हळ्यार, सगळे पाडे एकेक करून मरत वतात. सैमा नेमाक लागून येवपी पीडेक ते बळी पडटात. हें सगळें दोळयांनी पळयिल्लें आशिल्ल्यान हो सवो पाडो दितना पारोतील्या दोळयां सामखार आदले सगळे पाडे आयले बगर रावले नात. पूण दुसरो उपाय ना जावन "जांगेल्या नशिबांत जें आसा तें घडटा. ब्रह्मदेवान बरयिल्लें कोणाक बदलावपाक जाता?" म्हूण मनाक शांत करत पाड्याक पोरशीत घराच्या देणप्यां मेरेन पावोवन "वचून यो पुता!" म्हूण पोटांतल्या पुताक सांगतात ते मायेन सांगून जेन्ना ती आयली तेन्ना तिगेल्या दोळयांतल्यान दोन दुकां गळळीं.

आयज तिणें पुजे खातेर घोवाक न्हंये पलतडीं वचपाक लायलें खरें, पूण तिका मनांत मात वायट दिशिल्लें. ती घरा आयली. उलोवया म्हळ्यार गोपीलो पाडोय ना. सुरान तो आपल्यागेर व्हेल्लो न्हय? नणंद आनी भावज तोंडाक कुलूप घाल्ले भशेन उलयनासतना कामाक लागलीं. ओलो जळोव रान्नींत कोंबून पारोती रांदपा तयारेक लागली. सरसोती दुसरें खंयचेंच काम ना म्हूण सकाळीं शिजयिल्लें धोण परत कडोवपाक बसली. ओलो जळोव रान्नींत घाल्ल्यान सगळो वाठार धुकटान भरिल्लो. हेवटेन रान्नींत पत्रो घाल्ल्यान जाल्लो धुंवर तोंडांत गेल्ल्यान सरसोतीक खांकेर खांक येवपाक लागली. आसा त्या उज्यान रांदनीवेलें शिजतलें म्हळया विचारान खांकून खांकून पुरो जाल्ल्यो दोगीय जाण भायर सोप्यार येवन हात पांय पसरावन आड पडलीं. न्हिदिल्ले कडेन तांच्यो वैराग्याचेर गजाली सुरू जाल्यो.

सरसोतीन "आशाढ एकादस केन्ना काय? ती बेगीं आयल्यार चार भागवत कथा तरी आयकुपाक मेळटलीं. आदल्या वर्सा खंय मेरेन काणी पाविल्ली पळय? अक्रूर येवन कृष्णदेवाक आपोवन घेवन वता, थंय मेरेन न्हय? थंयसूनच आतां मुखार सांगल्यार बरें जातलें. पारोती, त्या कंसासुराक कशी न्हय नस्ती पाड बुद्द आयली ती? भयणील्याच भुरग्यांक मारपाक ताका मन कशें जालें कोण जाणा!" म्हळें.

"सगळी तागेली माया; त्या देवाली ती करणी पळय. जाय जाल्ल्यांक भुरगीं दिवपाचीं सोडून तो न्हय जाल्या भोंवतणी भुरावळ कित्याक पुंजायता कोण जाणा!" पारोतीन म्हळें.

हें उतर पारोतीन म्हळें खरें, पूण ताजो खरो अर्थ तिका उपरांत होलमलो. फळाक आयलें नाशिल्लें आपणालें दांपत्य जीवन तिगेल्या दोळयां सामखार जोगलां भशेन झळकलें. नाका आसतना गोपीगेर स पाडेय जाल्ले ती जाणा आशिल्ली. "तुगेले गोपीक पाडी केन्नाच जायना" म्हळळें घोवालें उतर तिका येवजलें आनी तें आपणाक उद्देशून म्हळळे भशेन तिणें ते मनाक लावन घेतलें. "म्हाका पूत ना आनी धूवय ना; म्हाका हाजी इतली खंत भोगता तर घोवाक कितली दिसपाक फाव! फाल्यां मरतना तोंडांत उदाक सोडपाक एक तरी पूत नाका?" तिका दिसलें.

हो विचारच सामको तापदायक आशिल्लो. "तशें पळयत तर हांकां कितें उणें आसा? जेवपाक आसा, जमीन आसा, भाट आसा, घर आसा आनी घरांत गोरवां आसात. गरीब

आसले तरी कोणाकडेन मागून खावपाची गरज ना. पूण हें सगळें केन्ना मेरेन जाय? जितें आसा मेरेन. पूण उपरांत, तो वेळ आयल्यार, भुरग्यान तोंडांत एक चिपट तीर्थ घालपाचोय योग ना जालो न्हय, देवा!'' म्हळळो विचार तिका आयलो आनी तिगेल्या दोळयांतल्यान चार दुकां गळळीं. तीं सरसोतीक दिसले बगर रावलीं नात! तिणें दुकां गळोवपाचें कारण कितें हें सरसोती जाणाच आशिल्ली. अशा वेळार तिका समाधानाचें उतर सांगून सांगून हिका पुरो जाल्लें. ''पारोती, अमर देवाक तूं म्हयन्यांतल्यान स-स फावटी प्रदक्षणा घालता. दर वर्सा संक्रांती वेळार आणेगुड्डावेल्या गणपतीचें दर्शन घेता. तुवें खंयचे व्रत केलां आनी खंयचे केलें ना हें सांगप कठीण! पिंपळाक तुवें घाल्ली आतां मेरेनची प्रदक्षणा एकठांय केल्यार ती काशी यात्राच जातली. हांतलें खंयचेंच फळाक आयलें ना. हाजो अर्थ कितें? ताकाच फळ दिवपाची इच्छा ना अशें जालें ना? तागेले इच्छे मुखार कोणाक कितें करपाक जाता? आतां आनी तुका दीस वचत म्हूण दिसता? जावं, करचें आनी कितें? कोणाक तरी पोसपाक घेतल्यार जातालें न्हय?'' म्हूण सरसोतीन तिका समाधान करपाचो यत्न केलो.

पारोतीक आज ना फाल्यां दीस वतले म्हूण वाट पळोवन सामकीच निराश जाल्ल्यान सरसोतीन हो निमणो उपाय सांगलो. पारोतीकय तिगेलें सांगणें समा दिसलें. हें इतले दीस येवजलें ना कशें म्हूण पारोतीन आपणाले मंद बुद्दीक हिणसायलें. पोसको म्हूण जरी घरांत हाडलो तरी तागेल्या हातान स्वर्गा वाट उक्ती जातली अशें तिका दिसलें. बापूय, आवय म्हूण तो आमचें स्राद्ध बी वाडटलो, तर्पण बी दितलो म्हळळोय विचार तिका आयलो.

हो नवो विचार आयिल्ल्यान तिजें चिंतप इल्लें उणे जालें. तेन्नाच भायर मळबार एकठांय जाल्लीं कुपां उबत गेलीं. पंद्रा दीस मेरेन तोंडच दाखयनाशिल्ल्या सूर्याचीं किरणां घरा आंगणांत आयलीं आनी न्हिदिल्लीं दोगींय जाणां सट्करून उठलीं. ''आतां उठया. जळोव तरी हाडून वतांत उडोवया. सूर्यदेवान इतलो उपकार केलो तो व्हड जालो. सुकता तितलो जळोव सुकतलो. पत्रोय बी हाडून उडोवया. तो ओलो जाल्ल्यान रान्नी उजो फुंकता तितलो न्हिवता.'' अशें म्हणत तीं कामाक लागलीं. दोंगाय धांवतच गोठ्यांत गेल्यो. थंय सोपणार आशिल्लो जळोव, पत्रो, जिगां, बी आंगणांत पातळायतकच तांकां समाधान जालें. पंद्रा दीस मेरेन दोळे धांपून पावस पडिल्ल्यान सगळो जळोव ओलो जाल्लो. तो पेटोवप सारको आनी होम घालप सारको अशें जाल्लें. अशा वेळार आयिल्लें वत कोण सोडत?

हें काम सोंपलें. सरसोत्ती आंगणांतच रावन कितें तरी विसरिल्ले भशेन येवजिताली. ''तूं न्हावपाक वच; तुजे फाटोफाट हांवय येतां.'' पारोतीन म्हळें. पूण सरसोतीक कितें तरी विसरिल्ले भशेन जातालें. वत आयल्यार कसलें तरी काम करपाक जाय म्हूण तिणें येवजून दवरिल्लें. पूण आतां तें काम कसलें तें सुचना जाल्लें. तें काम तशेंच उरत म्हूण तें काम कसलें काय ह्या विचारांतच ती उरली. तिका न्हावपाचें भान उरलें ना. तशी विचार करत ती राविल्ली पळोवन पारोतीक बेजार आयलो. ''कसलें काय तें काम?'' म्हूण विचार करत ती एकटीच तळयार गेली. उदकांत तीन फावटी बुडकी मारून वयर आयली. अशे तरेन न्हावपाचें शास्त्र सोपोवन ती ताकतिकेन घरांत वचपाक लागली. काम करतना आनी न्हातना रान्नीर दवरिल्ल्या शिताची याद उरूंक नाशिल्ली. तें येन्ना पेज जाल्लें आसत म्हूण भिरांतेन धांवत घराकडेन यो जाल्यार सरसोती आंगणांत रावन विचार करतच उबी

आशिल्ली.

तिका पळयत आसतना पारोतीक झुप्प करून याद आयली. “हां, म्हाका आतां याद जाली पळय. वयर माळयार पापड, वडी आसात. ह्या पावसा तडाक्यान तांकां बुरशी येनासतना कशी रावत? ते वतांत उडोवपाक जाय न्हय?”

“हय वय! म्हाका कितें तरी विसरिल्ले भशेन जातालें तें हेंच तें! ते वतांत घालपाक जाय. तुका माळयार चडपाक जावपाचें ना. अनवाळ्याचे पापड न्हय ते? ताका न्हायनासतना आफुडपाक जावचें ना. हांवच वतां आनी एक बुडी मारून येतां.” म्हणत सरसोती न्हावपाक धांवली.

ती न्हावन येताली. रांदचे कुडींतल्यान पारोती भायर आयली. तिणें “एक काम मात बेस बरें जालें हां!” म्हळें. “कसलें तें?” सरसोतीन विचारलें. “आनी कसलें? शीत चड शिजून पेज जाल्यां. वाळ्ळें जाल्यार निवळच आयलो ना. तुका तसलें पेजे शीत आवडना. जरा निबर आसत जाल्यार तूं मूठभर चड जेवता.” पारोतीन म्हळें. “एक दीस पेंजे शीत जेवल्यार हांव मरपाचें ना.” म्हणत सरसोती माळयार चडली. पापड आनी वडी आशिल्लो करंडो सकल आशिल्ले पारोती कडेन तिणें दिलो. सकल येवन ताजें तोंड उगड जाल्यार घम्म वास मारलो. पंद्रा दीस सतत पडिल्ल्या पावसान पापडांक खाडमिश्यो आयिल्ल्यो! करंडो धुकळत भायर सोपणार हाड मेरेन भायर मळब काळें जाल्लें. “देवा सायबा! ह्या पावसाकय मस्कऱ्यो येवजतात. पापड सुकोवंया म्हूण हाडल्यार ह्या मळबाक मस्ती मारली दिसता. जालें, आतां सगळो जळोव एकठांय करपाक जाय. ना जाल्यार आतां मेरेन सुकयिल्लो सगळो वावर फुकट वचत.” पारोतीन म्हळें.

“तूं ओगी राव गे. तो सुकिल्लोय तितलोच आसा. तो पावसान भिजलोय जाल्यार कांय जावचो ना. सवकासायेन सांजेचो तो काडूं या. म्हाका काळजी पडल्या ती ह्या पापडांची. बेगीन जेवन रांदनी पेड सारोवन निवळ करून घेवया. ताजेर शंभरेक पापड सुकोवपाक जातले.” सरसोतीन म्हळें. पारोतीकय तें समा दिसलें. दोगी जेवपाक भितर वतालीं इतल्यांत गोठ्यांतल्यान गोपीन ‘हांबे’ केल्लें तें आयकलें. पावसाक लागून गोपी गोठ्यांतल्यान भायर सरनासतना सप्तक जावन गेल्लो. भायर आसर पडिल्लो पळोवन आपणाक भायर सोडपाक कोणय येत अशें तिका दिशिल्लें जावंये. पूण कामाच्या बोवाळांत थंय कोणच आयलीं नात तें पळोवन तिणें ‘हांबे’ केल्लें. गोपी कितलीय सावकासायेन हांबेली तरी पारोतीक तें आयकूंक येता. “गोपी पाड्याची याद येवन हांबेता जायत.” म्हूण तिणें म्हळें. पारोतीन गोठ्याकडेन वचून पळय जाल्यार गोपी आपणाले दांवें ओडत हांबेताली. “राव गो, सोडतां.” म्हणत पारोतीन तिजें दांवें सोडलें. वासरा भशेन उडक्यो मारत गोपी गोठ्यांतसून आंगणात आयली. आतां पावस नाशिल्ल्या वेळार पांय जरा मोकळे करून घेवया म्हळ्ळी इत्सा तिका जाल्ली आसत. तेदोळ मेरेन एक वारो आयलो. त्या एकाच वाऱ्यान मळब सगळें निवळ जालें आनी सगळो वाठार भांगरा वतान भल्लो.

“जेवन जालें तशें तुका भायर चरपाक व्हरतां.” पारोतीन गोपीक म्हळें आनी तिका झाडापोंदा सांवळेंत बांदली. तिका पिवपाक तोलकल दवरून ती जेवपाक गेली. भितर वचून “गोपीक भायर जरा सोडपाक जाय. हांव जेवतां आनी तिका घेवन वतां. वत

अशेंच आसत तर तूं पापड जरा पातळाय'' म्हूण सरसोतीक तिणें म्हळें. अशे तरेन खबरी करत जेवत बशिल्ल्यान शीत 'पेज' जालां म्हळळें सरसोतीच्या लक्षांतच आयलें ना. दोगी जेवलीं. पारोती भायर आयली. गोपीचें दांवें सोडलें. हांगा आशिल्ले गोपीक मात सोडल्यार जालें? भितर गोठ्यांत दूद दिवप बंद केल्लीं आनिकूय दोन सुकडीं गोरवां आसात न्हय? तीं म्हातारीं जाल्यांत; दूद दिनात. ''तुमीय गोपी वांगडा हातपांय हालोवन येयात'' म्हणत त्या सगळया गोरवांक घेवन ती आडांबो काडून भायर आयली. घरा फाटली रेंवेची दोंगुल्ली काडटकच एक सडो आसा. पावसा उदकान सड्यार पाचवेचार तण जाल्लें. तो मळ सगळो पाचवी शाल पांगुरिल्ले भशेन दिसतालो. पाचवे रंगभूंयेर थंय वत नाचतालें. ते वटेन सामकारा पावसा उदकान भरिल्लो दर्या गाजतालो. हें सगळें पळयत पारोती थंयच रावली. सैमाची सोबीतकाय पळोवन रावली काय? आवयस, तिका आनी सैमाचो मोह कसलो आसत? तो दर्या, ती न्हंय, तो संगम, ती वेळ-सगळें तिका सदचेंच जाल्लें. आज कितलीं वर्सां तें सगळें ती पळयताली. ताज्यांत सुंदरकाय आसता हेंय ती नकळ आशिल्ली. पूण एक मात खरें, ती आज जेन्ना वेळेर आयली तंन्ना तिगेलें मन मात खोशेन फुलिल्लें. आपणाक मेळिल्ल्या एकटेपणाक लागून गोपीगाय ल्हान वासरा भशेन त्या वाठारभर खोशेन उडकी मारत आशिल्ली. तिणें शेंपडी वयर केल्ली. तिका चरपाचेंय भान नाशिल्लें. तिजी उपाट ओतपी खोस पळोवन म्हातारीं गोरवां लेगीत, रावंक नज जावन, हांगा थंय धांवपाक लागिल्लीं. पारोतीक तें पळोवन हांसो आयलो. ''हांकां पिशें लागलां! अगो गोपी, अशें नाचता कित्याक?'सांकव मोडला तेन्नाच न्हंयंत न्हावन घेवचें आसता' आतां वत पडिल्ल्या वेळारच तण खावन घेवचें सोडून असो शिगमो कित्याक काडटा? पावस बी येत.'' तिणें म्हळें. पारोतीन हें सागिल्लें गोपीक कळळें आसूं ये. तिणें धांवचें सोडलें आनी ती चरचर करत तण खावपाक लागली. खातना म्हूण धांदळ केदी तिजी! तिगेल्या दोळयांत लकलकपी खोस केदी! सतत स म्हयने सुकें तण रगडचें पडिल्ल्यान हें पाचवें तण तिका आज पक्वान्ना भशेन लागलें आसत. गोपी बरोबरचीं म्हातारीं गोरवां मात तण सपासप खायनाशिल्लीं. तांचे दांत पडिल्ल्यान तें खावप तांकां कठीण जातालें. तरी पूण तीं खोशेन चरतालीं.

रखरखीत वत तशेंच उरलें. पारोती मात्यार हात घेवन तशीच उबी राविल्ली. पूण जेन्ना वत सोंसना जालें तेन्ना उंडी झाडाचे सावळेंत येवन ती रावली. ''कितें बाये हें पावसाळयांतलें वत!'' तिणें म्हळें आनी झाडां सांवळेंत चरत आशिल्ल्या गोरवांक पळयत रावली. पूण अशें काम नासतना ओगीच रावपाची तिका संवय नासली. तिणें हेवटेन तेवटेन पळयलें. थंय उंडी फळां पडिल्लीं. तीं पुंजावपाक ती लागली. एकेक उंडीफळ वेंचून व्होंटेंत घालत रावली. थोड्या वेळान व्होंट भरली. ''हीं फळां पळयल्यार कोणय व्हरनासतना रावत?'' तिणें म्हळें. थंय येवन इतलो वेळ रावनय आपल्याक तीं वेंचपाची बुद्ध कशी आयली ना म्हूण तिका अजाप दिसलें आनी आपणाले मंद बुद्दीक तिणें दोश दिलो. तो वेळ मेरेन तिगेली व्होंट उपाट भरिल्ली. तीं सगलीं फळां तिणें एका जाग्यार ओतून थंयच रास केली. ती व्हड रास पळोवन तिका घाणेकाराली याद जाली. त्या आदीं पुंजायिल्लीं उंडी फळां दर वर्सा भशेन गोविंद मेनियनाकडेन व्हरपाचीं उरिल्लीं. दर वर्सा ती आनी सरसोती अर्द कळसो उंडेल काडपाक पुरो जावपा इतलीं उंडी फळां पुंजायतालीं. हीं

आतां पुंजायिल्लीं आनी घरांत पुंजावन दवरिल्लीं उंडी फळां एकठांय केल्यार ह्या वर्सा तितलेंच उंडेल मेळटलें. पावसा पयलींच उंडी फळां फोडून ताज्यो बियो वतांत बऱ्यो सुकोवन दवरिल्ल्यो जाल्यार मेनियाक तीं रोखडींच दिवपाक जातालीं. "म्हजी याद अशीच पाडी. जावं, आतां तरी याद जाली न्हय? ना जाल्यार, तेल सोंपिल्ल्या वेळार देवाकडेन दिवो लावपाक तेल ना जावन हाजेकडेन, ताजेकडेन मागून हाडपाचो प्रसंग येतालो." अशें तिका दिसलें.

तशें पळयत तर तांगेर देवाकडचो एकच दिवो न्हय; एक लामण दिवो, एक निरांजन आनी एक हातांत घेवन भोंवपाचो अशे आनिकूय दिवे आशिल्ले. सगळयांकच उंडेल लागतालें. अशे तरेन आपणाले विसरायेक लागून घरांत दिवो पेटपाक अडचण येताली म्हूण तिका आपणाचेर राग आयलो आनी वायटय दिसलें. "कितें कोण जाणा, दीस वतां वतां म्हगेली याद सामकीच कमी जायत गेल्या." म्हणत तिणें आपणाकच दुशण दिलें आनी घाणेकार मेनियागेर आपणेच वचून उंडी फळां दिवचीं अशें थारायलें. "वतांत सुकय नाशिल्ल्या उंडी फळांचें तेल सारकें येत काय? पूण आतां वत कशें मेळटलें? आयज आयलां तशें वत आयल्यारय जातालें." अशें तिका दिसलें.

अशे तरेन उंडेलाचो विचार करत दीस सोंपलो. ती विचार करत दोन-तीन वरां बशिल्ली आसपाक जाय. इतल्यांत सपनांतल्यान जाग आयिल्ले भशेन जाली. "अगो गोपी, आतां चरिल्लें पुरो... ए कंपी, अगो चंपी, आतां घरा वचया; चलात." म्हूण तिणें गोरवांक आपयलें. तिंवूय सपसपी आयलीं. तांकां आमुडत पारोती घरा पावली. गोठ्यांत गोरवांक बांदून तशीच ती भितर गेली. "अगे, म्हगेली ही उजो लागिल्ली याद पळयली तुवें? ह्या वर्सा गोविंदाकडेन उंडी फळां पावयलींच नात. दिव्याक तेल नासतना रावपाची पाळी येतासली पळय." पापडा वेलो बुरशीचो कापूस फापुडत ते पापड करंड्यांत भरत आशिल्ले सरसोतीन म्हळें". "तुका याद ना जाल्यार कितें जालें? म्हाका याद आशिल्ली. ताका आपोवन घरांत आशिल्लीं उंडी फळां ताजेकडेन हांवें दिल्लीं. आनेक दीस पुंजायल्यार कळसो भर उंडी फळां हाडपाक जातालीं; पूण पाडो पावस ओतलो आनी थंय वचपाकच मेळ्ळें ना."

त्या वेळार दोगी आंगणात आशिल्ल्यो "आतां हांवें एक कळसो भर उंडी फळांची रास थंय केल्या. पाटलो घेवन वतां आनी तीं घेवन रोखडींच येतां." पारोतीन म्हळें.

"म्हगेलें पापडांचें काम सोंपत आयलां. जाय ते दीस जाले हांव ते वटेन पावंकच ना. आज उंडी फळां हाडपाच्या निमतान तरी वचून येतां. कशेंय आसूं, देवा दयेन आज एक वत तरी बरें पडलें न्हय! जळोव सारको सुकलो ना; पूण पत्रो बरो चरचरीत सुकला. जळोव सारको सुकपाक जाय जाल्यार असलेंच आनेक वत जाय. फाल्यांय अशें वत पडल्यार पुरो." सरसोतीन म्हळें. "फाल्यां येवं वा येनासतना रावं, आज आयिल्ल्यान जळोव मातसो सुकलो न्हय? चार दीस दोळयांत दुकां काडनासतना रांदपाक मेळतले. वतान उपकार केलो म्हणपाचो." पारोतीन समाधानान म्हळें.

आंगणांतलो पत्रो आनी जिगां पारोती एकठांय करपाक लागली आनी पाटलो घेवन पुंजायिल्लीं उंडी फळां हाडपाक सरसोती उंडी झाडां आशिल्ले दोंगुल्लेर गेली.

सगळो जळोव पुंजावन गोठ्याच्या सोंपणार घाल मेरेन तिळसांज जाली. गोरवांक

घालपाचें धोण सकाळींच शिजोवन दवरिल्लें. तांतलें थोडें पंचांडेंत घेवन गोरवां मुखाल्या दोणांत तें तिणें ओतलें.

तेवटेन दोंगुल्लेर गेल्ले सरसोतीक पाचवोचार सडो पळोवन खोस जाल्ली. "तिणें तर उंडी फळां पुंजायल्यांत; म्हाका आनी कितें काम आसा? हांव पत्रो तरी एकठांय करतां. तो काय बरो सुकला आज." असो विचार करत तिणें उंडी झाडाचे चार ताळे मोडले आनी ते एकठांय बांदून पत्रो झाडपाक लागली. "थोड्या वेळांतच तीन चुळीबुटे इतलो पत्रो एकठांय जालो" तिणें खोशेन म्हळें. तिणें उंडीफळां सगळीं पाटल्यांत भरली आनी व्हरून घरा चौकेर कोनशांत ओतलीं. परतून येतना व्हड पाटलो घेवन आयली. तातूंत मस्तून-माडोवन सगळो पत्रो भरलो आनी घरा व्हेलो. तिगेले जिबेर तीळ आसा जायत. तो पत्रो सारको तीन चुळीबुटी भरिल्लो!

"पारोती, हो पत्रो हांवें हाडना जाल्यार कुसून मातये भरवण जातालो न्हय?" सरसोतीन म्हळें.

तिळसांज जातना चौकेर दिवो लावन दवरतना पारोतीक परत उंडेलाची याद जाली. तिणें सरसोतीक आपोवन "मेनियाक तुवें उंडीफळां दिल्लीं न्हय?"

"हय."

"ताणें तेल हाडून दिल्लें याद जायना मूं?"

"तेल तो सावकासायेन हाडटलो. तागेलें काम ताणें केलां. आमकां जेन्ना तेल जाय जातलें तेन्ना ताका याद करपाचें. तें तेल आतां गोविंदागेर उरलें कितें आनी आमगेर उरलें कितें?"

"हांवें ताजे खातेर म्हळें ना. गरजेक जाय तितलें तेल आमगेर आसपाक जाय न्हय?"

"अर्द गिंडे परस चड आसा! पंद्रा दीस सहज पावतलें. तशें पळयल्यार आतां ह्या पावस-वाऱ्यांत तीन-तीन दिवे पेटोवपाक तरी कित्याक जाय? घरांत कितें मोतयांचो पावस पडपाचो आसा तर!"

पारोतीक समाधान जालें. उंडेलाचो म्हत्त्वाचो प्रस्न सुटिल्लो. ती तशीच गोठ्यांत गेली आनी तिणें गोपीचें दूद काडलें. देवाकडेन दिवोय पेटोवन जाल्लो. दीसभर कामांत आशिल्ल्यान आंग सगळें किचकिचलां. परतून एक फावटी न्हावपाक जाय. दोगी न्हावपाक गेलीं. वयर कुपां नाशिल्लीं. पूण धग मात जातालो. अशा वेळार तळये उदकांत बुडप म्हळयार बरें दिसता. दोगीय गळोभर उदकात रावन आंग घांसून घेत उलयतालीं. रातीं रांदपाक जाय काय नाका म्हळ्ळो प्रस्न आयलो. "तूं कशीय जेवना. म्हाकाय पोटाक भूक ना. सकाळीं मोव जाल्लें शीत जेविल्ल्यान जायत." पारोतीन म्हळें. "तूं अशी उपास तपास काडत आसता आनी दिसान दीस बडी जायत वता. तुगेलो घोव थंय कांय उपाशीं रावचो ना. थंय तो पायस, पक्वान्नाचेर ताव मारत आसतना, तुवें हांगा इल्ली पेजय करून जेवल्यार जायना? रांदपाक बेजार येता जाल्यार सकाळचे एक मूठभर तांदूळ चड घालचे आशिल्ले. ताजी पेज करून जेवपाक जाताली. घरांत कटकटीत लोणचें आसा. तेल आनी मिठान कालोवन जेवल्यारय जायना?" सरसोतीन इल्ले रागानच म्हळें.

तशें पळयत तर घोव जेन्ना देवकार्याच्या जेवणाक भायर वतालो तेन्ना पारोती तशेंच करताली. पूण आतां पावसाळो न्हय? "तूं सांगता तें समा आसा. पूण हो पाडो

पावस-वारो व्हांवतना शेळी पेज तोंडांत घाल्यारच आंग शिरशिरता. गिमांत जाल्यार पेज थंडाय दिता खरी." पारोतीन सरसोतीक म्हळें.

सरसोतीक आपणाली ल्हानपणांतली याद आयली. तेन्ना ती पेज जेवताली. पूण कपला कुकूम पुसलो तेन्ना साकून ती शास्त्राकय पेज जेवली ना. आपणालें सोड, पारोतीन मात अशे त्रास काडप तिका बरें दिसलें ना. "तूं अशी उपाशीं रावल्यार तुगेल्या पोटांत उजो पडत. आतां तुका पुरो जालां. तूं न्हावन घे आनी इल्लो विसव घे. हांव रांदप करतां. सकाळचो रोस उरला मगे?" म्हूण सरसोतीन पारोतीक विचारलें आनी ती ताकतिकेन उदकांतल्यान वयर आयली.

"म्हाका कांयच नाका. तूं आनी कित्याक त्रास घेता... सकाळचो रोसय उरलो ना. अमुरपिको आंबो बरो लागता न्हय? हांवें तसलो एक आंबो आनी तवशें घालून कुंवळ केल्लो. ताका लागून तोंडाक बरी रूच आयली. एक उंडी चडच पोटांत गेली. तेन्नाच पोटांत कुटकुटिल्ले भशेन जातालें. अशें कित्याक लागून जालें आसत म्हूण विचार केलो. तो त्या अमुरपिक्या आंब्याचोच प्रताप आसतलो!" पारोतीन सांगून पुरो करचे पयलींच सरसोती थंयसून कडसरिल्ली. तिणें घरांत वचून रांदन पेटोवन आदन दवरिल्लें. पारोतीन आंग पुसून, अशें तशें भोंवत, न्हेसपाचें कापड सोदता आसतनाच ते वटेन सरसोती 'कालवण कसलें करप?' म्हूण विचार करताली. पारोतीन आंगणांतल्यानच "सांसव बिसंव कांयच करनाका; हांव आसा आनी म्हजें उदकांतलें लोणचें आसा." म्हूण सरसोतीक सांगलें.

"अशें कितें दळदीर लागलां तुका? आंबलेचें मिचकुटा लोणचें मुरोवपाक बुंयांवांत दवरलां. त्या बुंयांवाचें तोंड उगडलेंच ना. तें घेतल्यार जायना?" सरसोतीन पारोतीक म्हळें. आंब्याचे मिचकुटा लोणचें गिमांतच केल्लें. त्या बुयांवाचें तोंड उगडलेंच ना म्हळळेंय खरें आशिल्लें. देखूनच तिका तें खावपाचें नाशिल्लें. तिणें म्हळें, "तें हांवें कशें पयलीं खावचें? तांकां अजून तें वाडलें ना न्हय?"

"तुज्या शास्त्राक घाल उजो! आतां मेरेन ताणें जेवपाक गेल्लेकडेन आंब्याचे मिचकूटा लोणचें जाय ते फावटीं खाल्लें आसतलें. तुका नाका जाल्यार नाका. उदकांत घाल्ले आमलेचो गोज्जु तरी केल्यार खातली मूं?" सरसोतीन विचारलें.

पारोतीन 'जायत' म्हळें. पूण तितल्यान तिका दनपारां खाल्ल्या आंब्या कुंवळाचो प्रताप येवजलो. "नाका बाये म्हाका कांयच. दनपारा खाल्लो आंब्या कुंवळच पोटाक मानवलो ना. आतां परतून आमलेचो गोज्जू खाल्यार परतून त्रासांत पडन."

सरसोतीक संताप आयलो. "कांयच करचें नाका म्हणप आनी सदांच शीत आनी लोणचें घेवंन जेवप हेंच हिगेल्या नशिबांत आसा. अण्णाक हजार पटीं सांगलें - 'तुगेले गोपीलें दूद आटलां. आतां ती म्हातारीय जाल्या. एका मायत्याक चार गिंडी दूद दिवपी एक म्हस तरी घरांत हाड. इल्लो ताकाचो निवळ तरी पिवपाक मेळटलो' म्हूण. पूण तो तें लक्षांतच घेना. ताका कितें? सदां वता त्या घरांत भरपूर ताक खावपाक ताका मेळटा न्हय? 'हांगा ताक-दूद नासतना पारोती काडी जाल्या' म्हूण ताका हांवें सांगल्यार तें ताका खरेंच दिसना." म्हूण सरसोती आपणा भितरच रागान गुणगुणटाली. पूण हें उलोवणें भायर आशिल्ले पारोतील्या कानार पडलें. "तूं ओगीच तांकां कित्याक दुशण दिता? ताका उदाक

पिवपाक मेळळें म्हूण म्हाका स्वर्ग मेळटलो अशें तुका दिसता?'' पारोतीन म्हळें. ताका वेल्यान स्वर्ग आनी स्वर्गावेल्यान आपणाक पूत ना म्हळळो विचार येवन पारोतील्या दोळयांतल्यान दुकां गळळीं. तेवटेन हिजेकडेन विचारून कितेंय करपांत अर्थ ना म्हूण सरसोतीन दवल्यांत तेल घेवन चार वड्यो तातूंत परतायल्यो. उडदाचे तीन पापडय भाजले. तिगेलो जप जायमेरेन आदनाक ओतोय आयलो. दोगी ''शिव शिवा, ओम् नमः शिवाय'' सोपोवन जपमाळ फिरयता म्हणसर रांदप तयार जाल्लें. सरसोतीन पारोतीक आपोवन ''अगे, ताट घे. रांदप करप म्हळयार कितें व्हड काम? जळोव सडसडीत सुकिल्लो आसल्यार म्हणटा म्हणसर रांदप तयार जाता. आतांच पळय. कितलें बेगीन जालें.'' आपणाचेर नण्डेली केदी उपाट माया आसा तें येवजीत पारोती जेवपाक बसली. तिणें त्रास घेवन रांदलां; पापड, वडी बी भाजून दवरल्यात. पारोतीन ताट घेतलें आनी शीत वाडून घेतलें. सरसोतीन तीन पापड भाजून दवरिल्ले. तांतलो एक आनी दुसऱ्याचो अर्द कुडको हातार घेवन ताजेर चार वड्यो दवरून दुसऱ्या हातान एके गिंडेत उदाक घेवन पारोती भायर आयली.

सरसोती जप करपाक बशिल्ले चौकेर दिवो नाशिल्लो. तिणें पारोतील्या पांयाचो आवाज आयकून विचारलें, ''पारोती, अजून तुका जेवपाक म्हूर्त मेळळो ना?'' ''तशें न्हय, हें तीनय पापड खावपाक म्हज्या पोटांत वाग घुसला तर? हे तूं खावन सोड.'' म्हूण पारोतीन हातांत हाडिल्ले तिज्या मुखार दवरले आनी ती भितर गेली. सरसोती सामखार दवरिल्ले ते तशेच उरले. ती रातचे एक हजार आठ पंचाक्षरी जप केल्या शिवाय न्हिदना. तिगेलो जप सोंपमेरेन पारोती जेवन, जमीन सारोवन भितरलो दिवो घेवन भायर आयिल्ली. पळय जाल्यार पापड बी तशेच आसात. ''तें दवरिल्लें खालेंच ना?'' पारोतीन विचारलें. ''जप सोंपोवनच खावचें म्हण रावलीं.'' म्हूण सरसोतीन जाप दिली. जप सोंपलो. सरसोतीन आपणा सामखार दवरिल्ल्या पापडाचो अर्द कुडको पारोतीक खावपाक दिलो.

रातीं थंड वारें सुटलें. मळबार पावसा कुपां धांवपाक लागलीं. तांच्या वांगडा धाकटुलो चंद्र खेळ खेळटालो. आंगणांत इल्लें चान्नें नाचतालें. तें पळोवन ''हांगा दिवो कित्याक कर्माक जाय? भायर काय बरें चान्नें पडलां.'' म्हूण सरसोतीन म्हळें आनी दिवो पालयलो. दोगी मागीर खांब्याक तेंकून एकमेकां सामखार बसून शाकभाजी खंयची खंयची रोवची हेविशीं चिंतपाक लागलीं.'' पयर रोयिल्ले शाकभाजे बीं एकय उरलें ना. हो दळभद्रो पावस एक सारको लागलो आनी किल्लल्ले रोपेय कुसून गेले. परतून बीं रोवया म्हळयार तीं आतां कोणा कडसून हाडप? भेंडे बी कितले बरे किल्लून आयिल्ले!'' पारोती चुरचुरली.

''तें खरें, आतां आमगेर उरल्यांत तीं हीं तवंशीं. पूण तिंवूय कितले दीस पुरो जातलीं? चड म्हळयार आनेक म्हैनो भर कशेंय काडपाक जायत. आतां नवें बीं घालून रोपे जावन शाकभाजी हातांत पडमेरेन चवथ लागीं पावतली. तो वेळ मेरेन खावप कितें?''

''शाकभाजी ना म्हूण पापड, वडी, वो मिचकुटा लोणचें सदां काडल्यार तांकां राग येता. तशें नाका म्हूण सोय घालून सांसव केल्यार, 'नाल्ल सगळे सोंपय. वेळेवेल्या भाटांतले माड व्हांवन गेल्ल्यान नाल्ल मेळचे तितलेच आसात. येता ते रांदपाक घालपाक जाय; तेल काडपाक जाय, देवा धर्माचें कार्य जावपाक जाय. अशें खाल्यार कशें जायत?' म्हूण ते म्हणटात''

"तें खरें , आमगेल्या अण्णालें सगळेंच अशें. ताचे जिबेक चमचमीत जाय; पूण आज केल्लें फाल्यां नाका. आपूण कितें हाडटा काय ना हें तो पळयना; सगळें समा चलिल्लें मात जाय ताका."

"गेल्लें वर्स आमी नाका जाल्लीं शाणेपणा केल्लीं. आमगेले सकलचे शेत रोयनासतना तशेंच सोडचे परस थोडे तीळ रोयल्यार एक दोन बोगुणे भर तेल तरी जातालें. पूण तांणी 'रोवचें नाका' म्हळें न्हय? आतां खोबरेल सरतेरेर शंख मारल्यार जालो."

उलयतां उलयतां दीसभर केल्ल्या कामान शीण येवन तांकां झेम येवंक लागली. तांचो आवाज ल्हव जायत गेलो. हिणें उलयिल्लें तिका आनी तिणें उलयिल्लें हिका आयकूंक येना जालें. बशिल्ले कडेनच तांणी जमनीक फाट लायली. थंय न्हीदय लागली. इतल्यांत 'सांबशिवा' म्हळळो ऐताळांचो सदांचो आवाज आयलो. देणष्यांतल्यान भितर सरतना ते अशें म्हणत येताले. तांणी आंगणांत पांय फाफुडले. सातें आनी मुकटो सोप्यार उडोवन तळयार वचून पांय धुंवन आयले. "कितें! इतल्यांत न्हीदय आयली! एक दिवो तरी लावन दवरचो न्हय?" तांणी आवाज चडोवन म्हळें.

पारोती कच्च जावन जागी जाली. "हे आयले अशें दिसता." अशें म्हणत ती दिवो लावन हाडपाक रांदचे कुडींत गेली. सरसोतीन "ह्या रातीवेळार न्हंयतल्यान तुवें कित्याक येवपाक जाय आशिल्लें? हुंवारा उदाक भरिल्लें आसतना नसतो खेळ कित्याक करता?" म्हूण भावाक उलयलें.

"कसलो काळोख हो? पिठासारकें चान्नें पडलां. कन्याणचो सुब्राय वांगडाक आशिल्लो. आज कुंदापूरची सांत न्हय? तो थंय गेल्लो. येतना कोटातल्या बाजारांत मेळ्ळो. आमी उलयत हात हालयत सरसरी आयले. उदाक तशें चड देंवलें ना. सकाळचे भशेनच आसा. जोरगतीचें उदाक भल्लां जायत. सकाळ जाय मेरेन देंवतलें. पावस थांबूनय तसो चड वेळ जालो ना न्हय? सावकाश उदाक देंवतलें तें..."

"उदाक चड आशिल्लें व्हय?"

"उदाक न्हय तें? आसतलें चड. हात घालून मेजपाक जाता व्हय तर तें? म्हगेलें लक्ष सगळें सुब्रायाल्या उलोवण्याचेरच आशिल्लें. सरसोती, आमगेल्या सुब्रायाली फाटली भयण, ऐरोडीक दिल्ली पळय ती, कसलोच आधार ना जावन भावागेरच येवन रावल्या पळय, तिगेले चलयेचें लग्न खंय! नांव कितें पळय तिजें? ती आतां खंय आसा? हांगाच आसा, काय थंय ऐरोडींत आसा? ती येदीशी पिटकुळी आसतना पळयिल्ली याद जाता. तिजें लग्न जुळ्ळां खंय."

"ती आनी येदीशी? ते सावित्रीक आतां धा वर्सां जालीं आसतलीं. शिगम्याक धा जावन इकरावें लागतलें. लग्न वयार आयले उपरांतच करपाक जाय म्हूण आसा? एक मात हां, ती चली म्हळयार भांगर! ताजें नाक कितलें सोबीत! दोळे कितले ओडलायणे! काकुळट पोराची; ती येदी ल्हान आसतनाच बापूय बाबडो भायर पडलो आनी ती कंगाल जाली. तरी पोराक आवयन बाबडेन त्रासान व्हड केलें. आजोळचो आधार मेळ्ळो म्हूण जालें. जावं! तागेलेंच लग्न काय कितें? जावं पोराचें. देव बरें करूं ताका. चलो खंयचो खंय?"

"खंयचो तरी म्हूण सांगिल्लें ताणें; पूण आतां हांव विसरलों पळय."

“हय, तुमचें सदां अशेंच. तुमगेली यादय तुमचे भशेनच आसा.” दिवो घेवन येत पारोतीन म्हळें.

“तुमकां बायलांक पळय ‘भिकणां धरून भिकबाळी मेरेन’ याद उरता. आमकां दादल्यांक तें कित्याक जाय?” हांसत ऐताळान म्हळें. पूण तितल्यांत ताका याद जाली. “जाली याद! पारंपळळी लग्नालो चलो तो. तागेलो तो एकच पूत. हांगेली ही एकलीच धूव. चलो तसो बाबत कूळ न्हय; ताका धा खांडी बिंयाचें शेत आसा. घरांतच ते धा खांडी तांदळाचें शेत रोयतात. जेवपाक खावपाक उणें ना. पारंपळळींत कोणाकय जेवण खाणाचो तसो प्रस्न ना. थंयची मातीच तशी. गीम कितलोय तापलो तरी तोरी दाळे तोय आनी अळसांद्या भाजेक मरण ना.” ऐताळान म्हळें. वर्साक दोन फावटीय तोरी दाळ नदरेक पडप कठीण आशिल्ल्या ऐताळाल्या गांवांत तोय केलेंच जाल्यार मुगादाळीचें करपाक जाय. तशें पळयल्यार मुगादाळी तोय जिवाक थंडसाण दिता. पूण तें तितलें रुचीक जायना. अशें जाल्ल्यान तांगेर तोरी दाळे तोयाकूच वयलें स्थान आसता, हातूंत अजाप तें कसलें?

लग्नाचो विचार आयलो तसो ऐताळाक दुसऱ्या दिसाची याद जाली. “हें पळय सरसोती, तुमी दोगी वचून आड पडात. हांव रोखडोच सुरागेर वचून येतां. सकाळचें शेतांतलें उदाक देंवलें जाल्यार नांगर मारून उडय म्हूण ताका सांगतां. तागेलें शेत आमगेल्या शेतां परस सकल आसा न्हय? आमगेल्यांतलें उदाक पैलीं देंवतलें. तागेल्या शेतांत उदाक व्हांवन वच मेरेन आमगेलें शेत कसून जातलें. मागीर तरवो लावपाचें सवडीन कशेंय करपाक जाता. फाल्यां एकच वेळार गांवांतलें सगळयांचें कसप, रोवप बी सुरु जालें जायत तर आमकां कोण विचारचो ना; कामाक कोणच मेळचो ना.” सूराले घर थंयसून अर्द मैलार. ताका रातोरात सांगणी पावोवपाक ऐताळ वचपाक भायर सरले तें पळोवन “अण्णा, तुका पिशें लागलां काय कितें? हे मध्यान रातीं वचून सुराक कित्याक उठयता, कर्माक? तो आनी सुरा! दीस पडचे पैलींच सोरो पिवन न्हिदलो जाल्यार मदें आनी तो उठत? सकाळींच उठप ताणें. आतां तुवें वचून सांगलेंय जाल्यार सकाळमेरेन ताका ताजी याद उरपाक जाय न्हय? तूं आतां वचूं नाका. हांव सक्काळफुडें वचून येतां. सुराले बायले कडेन सांगल्यार घोवाल्या पोटांत इल्लें शेळें शीत घालून कसपाक धाडटली.” सरसोतीन भावाक समजायत म्हळें.

‘जावं, तशेंच करया’ म्हूण सगळीं आड पडलीं. आंगावेल्यान जल्लो गेलोसो भास जावन पारोतीक मदींच जाग आयली. कुशीक घोव न्हिदिल्लो म्हळळें तिका ध्यानांत आयलें. सरसोती कडेन पोसको घेवपाविशीं उलयिल्लीय याद आयली. तेविशीं घोवाकडेनय उलोवया म्हूण कूस परतून तांचे वटेन तोंड केल्यार थंय ते आसात खंय? “आवयस, येदे रातीं हे आनी खंय गेले आसत काय?” म्हूण विचार येता म्हणसर आंगणांत पांयांचो आवाज आयलो. पारोती उठली आनी दोळे चोळत हातुळणार बसली. ऐताळ थंय आयले. तिका हातुळणार बशिल्ली पळोवन “तुका न्हीद लागलीच ना अजून” म्हूण विचारलें. “सकाळफुडें वचपाचो त्रास नाका म्हूण आतांच वचून सुराक सांगून आयलों. ‘सकाळीं उदाक देंवतकच शेताक नांगर घालतां.’ म्हूण सुरान उतर दिलां. फाल्यां आनी परां ताका जाय त्या जाणांच्यो राटावळी करपाच्यो आसात खंय. हातुंतल्यान आपणालें शेत रोंवपाक

वेळ कसो मेळत म्हूण तो चिंतेस्त जाल्लो'' अशी तांणी घडिल्ली गजाल सांगली.

येदोळ न्हिदिल्ले कडेन तांकां एकच सपन पडटालें; गांवचें सगळयांचें शेत कसून तरवो घालो तरी आपणालें शेत तशेंच उल्लांशें, कामाक मानायच मेळ्ळे नातशें. अशें सपनेता आसतनाच तांकां जाग आयिल्ली. 'आतां आनी दुबावांत रावचें नाका' म्हूण ते उठिल्ले आनी नीट सुरागेर पाविल्ले. ते आंगणांत आयिल्ले पळोवन सुरागेरचें सुणें भोंक, भोंक भोंकपाक लागिल्लें. ''हात् पेट्या, ओगी रावता काय ना तो!'' म्हूण एक वटेन सुण्याक आंबुडत दुसरे वटेन ''एऽऽ सूराऽऽ, येघा व्हडान उलो मारिल्लो आयकनाऽऽ'' म्हूण घराक ते उठयत आशिल्ले. पूण कोणाचो कांय आवाज नाशिल्लो.'' निमाणें तांकां बेजार आयिल्लो. ''ह्या सुण्याकं आशिल्ली जाग त्या सुराक ना.' अशें म्हणटा आसतनाच भितरल्यान जाप आयिल्ली.

आपणें सांगपाचें तें सुराक सांगून न्हिदसुऱ्या दोळयांनी ते घरा पाविल्ले. ''हा, सांबशिवा'' म्हणत ते आतां शेंदरेर आड पडले. तांकां पुरो जाल्यार वो बेजार आयल्यार ते 'सांबशिवा' म्हणटात म्हूण जाणा जाल्ल्यान पारोतीन ''कितें? बरें दिसना?'' म्हूण घोवाक विचारलें. ऐताळान दोळे व्हड करत ''आतां सुरु जाले तुगेले नखरे? बरें ना जावपाक कितें जालां? न्हिदे दोळयांक जरा जांभय आयली. जेवणय जरा वेळान जाल्लें. हां, चल वचून न्हीद.'' म्हूण गवजी घाली. पोसको घेवपा विशीं उलोवपाक ती करताली. पूण आतां घोवान बेजारिल्ल्या वेळार ती गजाल नाका म्हूण ती ओगी रावली. न्हिदया म्हूण तशीच आड पडली. पारोतीक जाय तेन्ना न्हीद लागताली. ती सुस्त न्हिदली.

ऐताळांकय न्हीद आयली. भायर वणटीक बांदिल्ल्या तळूटमाडांच्या चुट्टां परस चड व्हड आवाजांत ते घोरेवपाक लागले. पावस पडिल्ल्यान भरून ओतपी दर्याचो गाज त्या आवाजा परस चड व्हडान आयकूंक येतालो. ऐताळालें घोरेवप, चुडटांचो सोऽसोऽऽ आवाज आनी दर्याचो गाज एकठांय जावन सैम आल्लय गायता तसो आवाज घुमतालो.

○

3

राम ऐताळान येवजिल्लें तशेंच जालें. सकाळ जामेरेन सङ्यावेल्या सगळया शेतांतल्यान उदाक व्हांवन गेल्लें. हुंवारय अर्दा परस चड देंविल्लो. सरसोती सक्काळ फुडें उठली. तिणे न्हंयेकडेन वचून उदाक देंविल्लें पयलीं पळयले. उपरांत ती सुरागेर गेली. तिगेल्या आवाजान सुराली बायल जागी जावन "कोण?" म्हण पळय जाल्यार मुखार सरसोती आसा! "कित्याक येवप जालें?" म्हूण विचारता म्हणसर सरसोतीन आपूण आयिल्लें कारण सांगूनय जाल्लें. "आवयस्, हे बामण कित्याकय आयल्यार घोड्यार बसूनच येतात!" म्हूण सुराले बायलेन म्हळळें आयकून 'ही अशें कित्याक म्हणटा' म्हूण सरसोतीक अजाप जालें. तो वेळ मेरेन तिणें भायर येवन "तुमगेल्या भावान येवन सांगून एक न्हीदय जाली ना. रातोरात कसली ही ताकतीक! कसपाचें तें सकाळचें न्हय?" म्हूण म्हळें. रातीं थंय येवन भावान दिग्विजय केल्लो सरसोती नकळ आशिल्ली. तिका हांसो आयलो. "तूं गाळी घालता जाल्यार घाल बाये. ह्या वर्साचें कसपाचें काम एक जाल्यार एक वर्स मेरेन तुमकां आनीक त्रास दिना सायबिणे.' सरसोतीन म्हळें.

कशेंय जावं, त्या दिसा सकाळ फुडें उतरा प्रमाणें सूर तांगेलें शेत कसपाक लागलो. थंड वारो आनी दंवा तालार मेळ घालत तागेलें काम जायत आशिल्लें. पूण वेल्या शेतांतलो तरवो हाडपाचो वावर मात सावकासायेन जालो. सुराले बायले बग़र हेर कोण मानाय तांकां मेळळो ना. पूण ऐताळ ओगी रावपी? बायलेक आनी भयणीक वांगडा घेवन ते शेतांत आयले. पावसांत भिजत तिगांनी तरवो काडून बांदलो. ऐताळान "हें काम करपाक आनी लज कसली?" म्हणत काडिल्लो तरवो मात्यार घेवन दांग मारत शेतांत उडोवनय जालो. मनांत आयल्यार ऐताळांक जमनाशिल्लें खंयचेंच काम ना. सांज मेरेन शेतांत सगळो तरवो रोवनय जालो. अशे तरेन त्या वर्सा शेताचें काम जरा बोवाळांतच जालें. सुरवेचे पंद्रा दीस मेरेन हुंवाराचें उदाक शेतांत उरिल्ल्यान सगळयांचें काम फाटीं पडिल्लें. अशेच कांय दीस गेल्यार तरवो गांठयेत म्हूण सगळेच ताकतीक करपाक लागले. अशे तरेन गांवांतलें सगळें काम एकच पंटी सुरु जाल्ल्यान कामाक मानाय तरी कशे मेळत? शेतांतलो तरवो काडप, तो तरवो रोवप आदी अर्दापरस चड काम घरातल्यांकच करचें पडलें. कसपाक सूर आनी रोवपाक तागेली बायल सोडल्यार आनी कोणाकय भायल्याक हाडप जमलें ना. सुराले बायलेन केल्ल्या कामा बदलाक सुराल्या शेतांत सरसोतीन कामाक वचून "कामाक काम" दिवन हिशोब मोकळो केलो. दुसऱ्यालीं कामां करत उरलीं आनी आपणालें शेत तशेंच पाड पडलें म्हूण सुराले बायलेन म्हणचो प्रसंग येवचो न्हय म्हूण तिणें तशें केल्लें.

ज्येष्ठ म्हयन्यांत सुरवेक व्हड तळया भशेन दिसपी अस्तमतेचें शेतामळ तरवो रोवपाचो वावर सोंपता म्हणसर पाचवेंचार दिसपाक लागलें. तडी वारें आनी पावस वारें पैस पैस मेरेन पातळिल्ल्या शेतांमळार व्हांवन पाचवीं ल्हारां नाचयतालीं. सोबीत ल्हारां पळोवन दर्या लजेन तकली सकल घालतालो जावंये. ऐताळाल्या घरा लागीं आशिल्ले दोंगुल्लेर रावल्यार

उदेन्त आनी अस्तम दोनूय दिसतालीं. अस्तमतेक पळयल्यार निळे-निळे पाचवेसाणेन घो घो गाजपी सदचो दर्या दिसतालो. दर्या देगेर फेणेर फस्स करून उडोवपी पाळां येतालीं. उदेन्तेक पळयल्यार दर्या इतलेंच व्हड दिसपी विशाळ शेतामळ आनी ताजेर सूंयऽऽ करत धांवपी पाचव्या तणाचीं सोबीत ल्हारां दिसतालीं.

पावसान सुरवेक त्रास जरी दिलो तरी फुडलीं नखेत्रां शेतकामाक जाय तसोच पावस घेवन आयलीं. इतलेंच न्हय, तर हुंवाराचें उदाकय जाय तशेंच व्हांवलें. ह्या वर्सा दर वर्सां परस तिप्पटीन जळोव पुंजावपी जाय ते जाण आसात. पूण ऐताळांचें घर संगमाक लागीं आशिल्ल्यान त्या वाठारांत चड उदकांत वचप बरें न्हय आशिल्लें. थंयसून थोडे पैस जे रावतात तांचें नशीब बर आशिल्लें. तांणी पुंजायिल्लो जळोव तांगेले गरजे परस चड जावन तांणी तो विकिल्लोय आसा. व्हांवत आयिल्लीं व्हड नाटां थंयच फोंडांत लिपोवन उपरांत कोणाक कळयनासतना विकिल्लींय आसात. सरसोतीक आनी पारोतीक तशें विकून पैशे करपाची इत्सा नाशिल्ली. पूण भरपूर जळोव मेळोवपाची मात इत्सा आशिल्ली. तसो जाय तितलो तांकां जळोव मेळ्ळो. आतां तीं आशाढ एकादस केन्ना येता काय म्हूण वाट पळोवपाक लागिल्लीं. तो दीस आयलो. गांवांत भागवत-रामायणाचें वाचप सुरू जालें. कृष्ण-बलरामाक अक्रूरान कंसरायाल्या घरांत व्हेल्ले तेन्नासाकूनच कथेची सुरवात केल्ली. तांकांय ती तशीच सरू जाल्ली जाय आशिल्ली. आशाढ, श्रावण सोंपलो . ते दीस कशे सोंपले तें कळ्ळेंच ना.

भाद्रपद सरत आयलो. भाता कणसांक भांगरा रंग आयलो. बाणा तोंकांर भिश्मान न्हिदिल्ले भशेन तण शेतांत आडवें पडलें. मेस्त विळयांक धार काडपांत गुल्ल आशिल्ले. मळबार कुपां भरलीं आनी गडगड सुरू जालो. शेतकारांनी शेतांत पावमेरेन बरें वत आशिल्लें. पूण विळयान शेत कापून पेंड्यो बांदता म्हणसर एक घटकेंतच काळीं कुपां मळबार भरलीं, जोगलांट सुरु जालो आनी पावसा धार ओतली! दीस-उजवाड आसतनाच काळोख भरलो. दर्या साकून उदेंन्तेतल्या दोंगरामेरेन जोगलां-वाली पुंज्यांनी पातळ्ळयो, झगझगल्यो आनी गडगडल्यो. वीज पडून दोळयां सामखारच तळ्ट माड जळत म्हूण भिरांत. एक दीस सरसोतीन आनी पारोतीन शेत कापपाक विळो घाल्लो मात, तांचे कडसून शंभर वांवांरच वीज पडली. तांगेलें आंग एकदम झुम्म जावन घट्ट जालें. हातांतलो विळो सकल पडलो. भानार येतना सरसोती तोंडान "धनंजया, धनंजया" म्हणटाली. तिणें पारोतीकय "धनंजया म्हण; ताणेंच आतां राखपाक जाय" म्हळें. पारोतीनय तशें म्हळें. तांणी ते वटेन तोंड फिरावन पळयलें जाल्यार स-सात तळ्ट माड लासून इंगळे जाल्यात. खिणा भितर दोगांनी घरांत धांव मारली. त्या दिसा शेतांत रावपाक कोणाकच धैर्य जालें ना. घरांत म्हूण कितें सुशेग आसा? कशेंय आसूं म्हूण पारय, कुराड बी आंगणांत उडोवन धनंजया लो जप करत तीं बसलीं.

तशे तरेन आजय जोगलां मारतालीं. पूण हो मळबाचो खेळ एकच दीस जालो. त्या उपरांत वतच वत! भांगरा रंगान भरिल्ली थंयची जमीन स-सात दिसांत काळी जाल्ली. वांयंगण शेतांत "हारे ऽऽ रे हात" हो नांगरतना येवपी सूर लागिल्लो. सुराले बैल जोत ओडपाक लागिल्ले. ऐताळाल्या घरा आंगणांत सुराली बायल, सरसोती आनी पारोती मात्याक लुगट बांदून माच्यार भात बडयत मदें मदें खोशेन गायतालीं. तरवो सगळो कुसून

वर्साचें पीक बुडतलें म्हूण पावसा सुरवातीक अखंदेत आशिल्लीं ऐताळागेरचीं आतां भाता रास पळोवन खुशालभरीत जाल्लीं. "ह्या वर्सा धा मुडी भात चड जावपाक जाय." सरसोतीन म्हळें. "म्हाकाय तशें दिसता." पारोतीन म्हळें. हें आयकून ऐताळ तापले. "तुमगेलें तोंडच फटकळ! धा मुडीच जाल्यार पुरो? एक खांडीभर जावपाचें नाका?" तांणी म्हळें. पूण तांकांय तें कितलें चड जालें आसतलें हाजो अदमास आशिल्लो. पूण तें सांगपाची मात तांची तयारी नाशिल्ली. हाका लागून त्या दिसा भात मेजपाक हाडिल्लो कुडोव आनी दांडो तांणी तसोच भितर दवरलो. दिवाळी जाल्या उपरांत घरांत आपूण एकटेच आसतना तांणी तें भात मेजून पळयलें. घरांतलीं बायलां भायर गेल्लीं पळोवनच तांणी तें मेजिल्लें. एकट्यानच मेजिल्ल्यान तांकां बरेंच त्रास जाले जाल्यार कितें जालें! अवंदू धा न्हय, पंद्रा कुडोव चड भात जाल्लें. सरसोती आनी पारोती घरा पाविल्ल्या वेळार तांगेलें मेजपाचें काम सोंपिल्लें. "कितलें जालें? गेल्ल्या वर्सा इतलें तरी जालें काय ना?" सरसोतीन विचारलें. "तुमगेल्या फटकळ तोंडाक लागून दोन कुडोव उणेच जालें." तांणी जाप दिल्ली.

पूण सरसोती काय मेंगी न्हय आशिल्ली. ऐताळ घरांत नात असो दीस पळोवन पारोतीक वांगडाक घेवन तिणें भात मेजून पळयलें. आपणें केल्लो अदमास समा म्हूण तिका कळळें. "सायबा, म्हज्या भावा! घरांतल्यां कडेनय अशें लिपोवप? घरा येतकच विचारतां ताका. काम करपाक आमी जाय आनी भात कितलें जालां म्हूण मात आमकां सांगप ना? पारोती, तणा गोणमे पळयिल्ले तेन्नाच तीनशेंक पेंड्यो तरी जास्त आसतल्यो म्हूण म्हाका दिशिल्लें. पूण हो भाव पळय!" तिणें संतापान म्हळें.

"चड आसा म्हूण आमकां कळत तर आमी कोणाकडेनय म्हणत म्हूण तांणी सांगलें ना आसतलें."

"इतलीय बुद्द ना तर आमकां? कापणी जाली तशीं आमी गांवभर सांगपाक वतालीं?'

"कशेंय जांव, आतां आमकां कळळें न्हय?"

"ह्या वर्सा तणय आसा, भातय आसा, घांटावेल्यान गोरवां आयल्यार एक म्हस घेवपाकच जाय."

"तूं म्हजे खातीर जाल्यार म्हशीची खबरच काडनाका. हांवें आतां ताक लोणी खावन फुगपाचें उरलें ना."

"दूद, ताक खावन तो कांय भागचो ना मूं? आसा तें खावपाक न्हय, तर आसप कित्याक, मसणाक?"

भात चड जाल्लें तें फकत ऐताळागेरच न्हय; कापणे वेळार सगळें शेतामळच फुलिल्लें दिसतालें. सगळयांगेर पीक बरें आयिल्लें. पावस सोंपल्या उपरांत पंद्रा दीस मेरेन खंय पळयता थंय खोशेन गावपी आवाज घुंवतालो. सगळया घरा-आंगणांत भात बडोवपाचें काम, गोणमे घालपाचें काम आनी मुड्यो बांदपाचें काम चलतालें. भात बडोवपाच्या वेळार 'भात चड पडूं' म्हूण केल्लें मागणें फळाक आयिल्लें. सगळया घरांनी ह्या वर्साची दिवाळी नाचत आयली. फटींगांत फटींग जरी मुंडकार आसलो तरी तो गेण घालनासतना रावचो ना म्हूण भाटकाराक दिसतालें. ऐताळाक जावं, सुराक जावं, सुब्रायाक जावं कोणेय "पीक कशें जालां?" म्हूण विचारल्यार "रुपयाक सोळा आणे न्हय जालें तरी बारा आण्याचें

आयलां. सुरवेक पंद्रा दीस हुंवारो आयलो नाशिल्लो जाल्यार मात रुपयाक अठरा आणे पीक आयल्या बगर राव नाशिल्लें.'' म्हूण म्हणटाले. पूण त्या हुंवाराक लागून शेतांत व्हांवत आयिल्ले मातयेन चड पीक येवपा सारकें केल्लें म्हळळें कोणाकच येवजलें ना.

आतां पावस ना. कापणे वेळार दर्याचो गाज चड जाल्लो. तो आज तसो ना. आतां पावस येवपाक खूब दीस आसात म्हूण तो उणो जाल्लो गाज सुचयतालो. माती व्हांवन गेल्या वेळार आपणालें नाल्लाभाट पळोवपाक दर वर्सा ऐताळ वचून येत आसताले. ह्या वर्सा तशे माड व्हांवन गेले नात. हुंवारान माती भाटांतच येवन पडिल्ली. ताज्या सामखारा तीन एकरा इतली रेंवेची नवी वेळ तयार जाल्ली. न्हंयचो राग अवंदू दक्षिणेवटेन आशिल्लो. थंयचें भाट व्हांवन गेल्लें. कांय घरांय व्हांवन गेलीं म्हूण आयकल्लें. ''ही न्हंय एकय वर्सा आपणाली वाट बदलनासतना रावना.'' म्हूण ऐताळान तेन्ना म्हळें. ते आपल्या भाटांत रावन पयस नदर लावन पळयताले. थंय पूर्ण कांय अर्दवट व्हांवन गेल्लें एक भाट तांकां दिसलें. तें कोणालें भाट आसत काय म्हूण तें विचार करपाक लागले. ''हां, तें सावकार विट्टप्पा नायकालें आसत अशें दिसता. ते वटेन आसा तें नवें भाट सुंदर शानभोगालें. तांगेलें गेल्यार हरकत ना'' असो विचार करत ते घरा पावले. ''सरसोती, काल आयकल्लें न्हय, तेवटेन कोणालें तरी तीन एकर नाल्ला भाट व्हांवन गेलें म्हूण? तांतलो एक कुडको विट्टप्पा नायकालो आनी दुसरो कुडको सुंदर शानभोगालो.''

''काकुळ्ट बाड्यांची! कितलो पैसो उदकांत गेलो कोण जाणा!'' सरसोतीन कळवळयान म्हळें.

''कसलें घेवन बसलां तूं पिश्या! आगो, तो कोणाकोणांक नागोवन केल्लो पैसो! सुंदर शानभोगान तर दीवाक धाडपाची मुडी बेचाळीस शेराची केन्नाच बांदिल्ली ना. चाळीस वो चाळीसा परस एक शेर उणेच तांदळाची तो मुडी बांदता. असो अन्यायान मेळयिल्लो पैसो व्हांवन गेलो.'' ऐताळान म्हळें.

सरसोतीलो राग भायर सरलो. ''तुका कितें, ह्या वर्सा पंद्रा कुडोव भात जास्त जालां म्हूण शिंगां फुटल्यांत? तांगेलें भाट गेल्यार अन्यायान मेळयिल्लें म्हणटा. तुगेल्या भाटांतल्यान धा वर्सां पयलीं व्हांवन गेल्ले न्हय माड-बीड; तें भाट अन्यायान मेळयिल्लें तुवें? कोणा-कोणां गेरची दक्षिणा हुमटावन...'' म्हूण हिणसावन म्हणत ती थंयसून गेली.

ऐताळाक भयणीन उलयिल्लें बरेंच लागलें. पूण जाप दिवपाक उतरां भायर सरलीं नात. तिणें उलयिल्लें येवजून तांकां वायट दिसलें. पंदरा कुडोव भात जास्त जाल्लें म्हूण हिका कोणें सांगलें? तिणें तें मेजलें काय? आपणें सांगिल्ल्याचेर तिणें भरवंसो दवरलो ना म्हूण तांका तिजो राग आयलो. पूण तोंड उगडपाचें धैर्य मात जालें ना. ''तग नाशिल्ले म्हातारेक शंभर गांवची उसाबर'' म्हूण बडबडत ते न्हावपाक गेले. त्या दिसा तांणी केल्ल्या जपाक शीममेर नाशिल्ली. उदकांत ते बुडी मार, मार, मारताले. नाक परत परत धरताले. धा-धा फावटीं ''गुरुर्देव गुरुर्विष्णु'' म्हूण सुरवात केली तरी परतून परतून आपलें म्हणप खंय पावलां तें विसरतालें. देवा पुजेक बशिल्ल्या वेळार केन्ना घांट वाजयली आनी केन्ना वाजयली ना हें तांकांच कळना जालें. कशी तरी पुजा सोंपोवन भायर आयले जाल्यार जेवपाक पान वाडिल्लें. तें पळोवन ''पारोती, म्हाका ताकतिकेन मण्णूराक वचपाचें आसा; तुमी जेवन घेयात.'' म्हूण सांगून चलपाकच लागले. ''पानार वाडलां; जेवन गेल्यार

जायना?'' म्हूण बायलेन म्हळें आसतना ''तें पंद्रा कुडोव भात जेवन सरयात; उपरांत येतां.'' म्हूण म्हणत सपासप हात हालयत रागानच गेले.

हो तांचो भार पळोवपाक सरसोती थंय नाशिल्ली. ती गोरवांकडेन गोठ्यांत आशिल्ली. तांगेली एक म्हातारी गाय मरणा देगेर पाविल्ली. तिज्या सामखारा बसून ती दुकां गळयताली. इतल्यांत पारोती थंय धांवत आयली. ''तांकां अशें जालें कितें?'' म्हूण तिणें सरसोतीक विचारता म्हणसर तिगेली नदर दुसरे कडेन गेली. ती थंय धांवली. केंपी गायन जीव सोडिल्लो. पारोतिल्या दोळयांत एकसारकीं दुकां व्हांवतालीं. तिणें गोपीक आनी आनीक एक गायक ''तुमी हांगा कित्याक रावल्यांत? सांजे येयात.'' म्हूण गोठ्यांतल्यान भायर आंबुडलीं. तीं गोरवां परत-परतून भितर येवपाक पळयतालीं. म्हणटकीर तिणें गोठ्याचें कवड लायलें.

सरसोतीन ''तो खंय आसा?'' म्हूण विचारलें.

''रागान गेल्यात; पंद्रा कुडोव भाताची खबर काडून, वाडिल्लें पान पळोवनय वचपाक गेले... तांकां कोणाचो राग आयला कोण जाणा!''

''राग आयल्यार जाता. गरिबाचो राग पोटार काळ. तागेल्या रागाक कोण भियेता? म्हजें पोट हांव जाय थंय भरपाक शकतां.'' म्हूण सरसोतीन रागानच म्हळें.

सरसोती थंयसून उठली. ''तूं भितर वच पारोती. मेल्या उपरांत कोण कितें करपाक शकता? तिगेले हांगचे उदकाचे रुणानुबंध सुटले. मेली ती... म्हारांक येवपाक सांगतां'' अशें म्हणत ती म्हारवाड्यार गेली. थोड्या वेळान ती तीग म्हार आनी एके म्हारिणेक घेवन आयली. गोठ्याचें कवड काडलें. ते केंपीक घेवन गेले. सरसोती आनी पारोती गोठ्या दारांत उबीं रावन केंपीली निमाणी यात्रा पळयतालीं. तांचे कुशीक रावन गोपी आनी चंपी आपणाल्यो मानो लांब करून इश्टीणीक व्हरतात तें पळयतालीं.

पारोतीन दोळया दुकां गळयत ''या, भितर या. आज तुमकां खावडय घाली ना; आतां तोलकल तरी घालतां.'' म्हळें.

तिणें भितर वचून तोलकल हाडचे बदलाक घरांत केल्लें शीतच तांकां घालें. गोरवांक अजाप जालें आसत. तीं त्या शिताक तोंड लायनासतना, हुंगनासतना रावलीं. सरसोती आनी पारोती भारेल्ले भशेन तळयेर वचून न्हावन आयलीं. उपरांत चिंतेस्त जावन चौकेर येवन बसलीं. ''ताका नाका जाल्लें घर म्हाकाय नाका.'' म्हूण सरसोतीन म्हळें. पारोती कांय उलयली ना. दीस पडपाचो वेळ जाता आसतना, मण्णूर साकून काय आनी खंयसून कोण जाणा, ऐताळ घरा आयले. सकाळच्याच रागान घुसफुसताले. कोणा कडेन उलयले नात. तशेच आंगणांत चारपांच फावटी येरादारी घालत भोंवले आनी गोठ्या सामखार आयले. गोठ्यांत केंपी गाय दिसली ना. ''हें घर कोणाकच नाका जालां. आतां सूर्य तर सामको अस्ताक पावलो. सगळीं गोरवां घरांत आयलीं काय ना हें पळोवपी कोणय घरांत आसपाक जाय न्हय? आपापणालें काम करपाची सुद्द नासली तरी हरकत ना, अधिकप्रसंग करपाक मात एकापरस एक मुखार!'' म्हणत गोठ्याचे फाटीं मुखार चारचार फावटीं भोंवन, केंपी दिसना तें पळोवन, निमाणें तळयेकडेन वचून ''केंपी यो, गे यो'' म्हूण आड्डून आपोवपाक लागले. घरांत कितें तरी करत आशिल्ली पारोती घोवालो आवाज आयकून भायर आयली. ''केंपी, गेऽऽ यो'' म्हूण घोवान आड्डल्लें परतून तिज्या कानार

पडलें. सरसोतीन देवा कुडींतल्या सोपणा वेल्यानच "केंपीय येतली आनी गेल्ली सगळीय येतली; .वाट पळयत बस तूं" म्हळें. हो सगळयांनी तापिल्लो वेळ. आपणें तरी थंडसाणेन रावपाक जाय अशें दिसून पारोती तळयेकडेन आयली आनी भियेत "केंपी ना; तिका कित्याक आपयतात?" म्हळें.

"केंपी ना; कित्याक आपयतात!" ऐताळान तींच उतरां आपणें म्हळीं. तांकां तांचो अर्थ ध्यानांत आयलो ना.

"ना, दनपारांच ती मेली. काल साकून तिणें तण खालें ना; थेंबभर उदाकय घेतलें ना. तुमकां हांवें राती कडेन सांगिल्लें न्हय?" पारोतीन म्हळें.

"तुवें कितें सांगलें! कितें? केंपी गाय मेली? तिका मारून जालें...! अशें एकेकट्यान गेल्यारच बरें. हांगा मर्यादेन जगप म्हळ्ळें कठीण जालां म्हळे नंतर..." ऐताळ तितल्यारच रावले.

पारोतीक तांगेल्या उतरांचो अर्थ कितें तो कळना जालो. सकाळसाकून वातावरण तापिल्लें आसा तें ती जाणा. पूण ताजें कारण कितें हें मात ती नकळ आशिल्ली. 'कितें जालें?' म्हूण विचारपाचें मात तिका धैर्य जालें ना. विचारलें जाल्यार रागाचो भार आनी वाडत म्हूण ती ओगी रावली. ते वटेन सरसोतीय ओगी बशिल्ली. पारोतीन एकटेनच घरांतलीं कामां सागशिलीं आनी ती गोठ्यांत गेली. गोपीन दूद दिलें ना. "कशी दीत? मरणाचें दुःख सगळयांक सारकेंच आसता." म्हणत ती घरा आयली.

घोवालें बाविल्लें तोंड पळोवन तांचें दनपारचें जेवण जालें ना म्हूण तिका खात्री जाली. तिवूय उपाशीं आशिल्ली. "रांदप जालां. बेगीं इल्लें जेवल्यार जायनाशिल्लें?" म्हूण तिणें घोवाकडेन येवन म्हळें. "जेवण! असल्या पाडपडिल्ल्या घरांत!" ऐताळान तापूनच म्हळें.

कर्तव्य म्हूण पारोतीन पान दवरलें आनी घोवाली वाट पळयत बसली. ऐताळ मंत्र गुणगुणत पानार येवन बसले. पारोतीन रांदिल्लें एकेक वाडलें. जेवतना ऐताळांचें मन खंय तरी घुंवत आशिल्लें. ते पानार बसूनच आशिल्ले. बशिल्ले कडेन जेवतच रावले. हाका लागून फाटल्यान आशिल्ल्यां खातीर परत रांदचें पडलें. पारोतीक त्या दिसा चुरचुरीत भूक लागिल्ली. ना जाल्यार ती परत रांदपाचे भानगडेक वचनाशिल्ली. रांदप जालें तशी ती नण्डेकडेन आयली. "सरसोती, तूं दनपरां जेवली ना. आतां तरी एक उंडीभर जेव." म्हळें. तिणें तशें सांगतना तिगेलो गळो भरून आयिल्लो, दोळे ओले जाल्ले. सरसोतीक भावजेल्या माये उतरांक 'ना' म्हणपाचें जरी जालें ना तरी "तूं जेव, म्हाका ह्या घराची उसाबरय नाका आनी जेवणय नाका." म्हळें.

मुखार कितें जालें तें कळना. चौकेर ऐताळान घोरेल्लो आवाज घुंवपाक लागलो. तांचो आज वेगळोच अवतार! मध्यान रातीक सुमार तांकां जाग आयली. पळय जाल्यार चौकेर दिवो मिणमिणटालो. हें अशें कित्याक म्हूण तांणी विचार केलो. दीसभर जाल्ल्या गजालींक लागून ते तापिल्लें खरें, पूण गाढ न्हीद पडिल्ल्यान आतां तें सान भुरग्या भशेन जाल्ले. वेळ कितलो जाल्लो आसत काय? दिवो कित्याक तसोच दवरला? असो एकेक विचार तांकां आयलो. निमाणें कांयच सुचना जावन तांणी 'पारोती' म्हूण उलो मारलो. पारोती अर्द न्हिदेंतल्यान उठून थंय मेरेन आयली.

"कितें? अजून दिवो तसोच दवरला?" पारोतीक तांणी विचारलें. ती ओगी रावली.

"जेवण जालें ना? कितली रात जाली आतां?" तांणी परतून विचारलें.

"बरीच रात जाली दिसता."

"जेवण जालें ना?"

"ना."

"कितें? जेवपाक आनी वेळ म्हण उरला?"

"हांवें एकट्यान जेवप? ती सकाळ साकून उपाशीं आसा. तुमी तिका कितें म्हळें? 'ह्या घराचो वेव्हार नाका; हांगचें उदकाचें नातें तुटलें' अशें ती म्हणटा. तुमीय दनपरां जेवनासतना गेले. तुमच्या रागान म्हळया... भशेन गायचेंय... तशें जालें."

ऐताळांक एकेक याद जावपाक लागली. आतां पोटाक भूक नाशिल्ली. बरी न्हीद पडिल्ल्यान रागाचो भारय उणो जाल्लो. आपणें सांगिल्ली गजाल, ताका भयणीन दिल्ली जाप, आपूण रागान जेवनासतना गेल्ले, आपूण घरांत नाशिल्ल्या वेळार गायचें मरण, घरचीं उपाशीं आशिल्लीं... हें सगळें तांका येवजलें.

"तूं सकाळींय जेवली ना?"

"पान वाडिल्लें पळोवनय तुमी जेवनासतना गेल्ल्यार हांवें जेवपाक कशें बसप?"

ऐताळांचो राग एकदम देंवलो. जसो तो चडिल्लो तसोच तो देंवलो. "हांवें एकट्यान बुद्द नाशिल्ले भशेन तशें केलें म्हूण तुमी सगळयांनी तशेंच करप? सरसू खंय आसा? तिका हांवच येवन सांगता- ह्या घराचो वेव्हार तिणें पळोवचो न्हय तर कोणें, हांवें पळोवचो? भटपण करत घरानघरा भोंवतल्यान?" म्हूण म्हणत ते सरसोती कडेन आयले. हीं उतरां सरसोतील्या कानार पडिल्लीं. ताजो परिणाम तिजेरय जालो.

"सरसोती, वचून जेव. ह्या रामान पिशेंपणान एक उतर म्हळयार तुकाय राग येवप? म्हजें नशीबच फुटकें..." म्हूण ऐताळान म्हळें.

"चल तूं, वचून न्हीद." सरसोतीन रोखडेंच म्हळें.

"तुमी जेवतलीं मूं?" ऐताळान विचारलें.

"जायत, जेवतात आमी. तूं वचून न्हीद. आतां आनी कांयंच उलोवं नाका."

ऐताळ वचून न्हिदले. सरसोती आज भावाल्या समाधाना खातीर म्हूण भावजे वांगडा जेवली. बऱ्याच वर्सांनी ती त्या दिसा राती वेळार जेवताली. जेवण सोपोवन तीं न्हिदपाक गेलीं.

रात सोंपून सकाळ जाली. अस्तमतेच्या मळबार देखणी कुपां एकठांय जाल्लीं. सकाळीं सूर्यान सोबीत सुंदर रामबाण सोडिल्लो. माडावेल्या आनी तळट् माडावेल्या थेंब्यानी सकाळचें वत भिजून तांच्या शेंड्यांक वेंग मारताले. त्या दिसाचें सैम कितलें निवळ! न्हावन नवें न्हेसून राविल्ले भशेन! दीस मुखार वतालो. कालची पाडपडिल्ली याद कोणाकच उरली ना.

भाटार नदर मारून येवपाक ऐताळ उमेदीन गेले. न्हंये तोंडावेल्या भाटांत वचून पलतडचें भाट पळयत रावनासतना ते हंगारकट्टे तारी कडसून वचपी शिडां-मचवे मेजपाक लागले. पैसल्यानच पळोवन 'तो मचवो दीवचोच आसपाक जाय; हय, दीवसाकून पडाव येवपाचो वेळ जालो. थोडे चड मचवे आयल्यार गांवांत तांदळाचो दर वाडटलो' म्हूण तांणी म्हळें. भाटांत भोंवत भोंवत पळयतना आपणाल्या भाटांत रेंव येवन जाल्ल्या नव्या रेंवेमळार

येते कृष्णाश्टमी वेळार कवाथे कित्याक घालचे न्हय म्हळ्ळो विचारय तांकां आयलो.

येवपी वचपी तारवां, फतेमारी, मचवे हांचीं शिडां पळोवन हंगारकट्टे बंदराचो फुडार सांगपाची ऐताळांची पयलीं साकून आशिल्ली एक संवय. "हां, तो मचवो, हो पडाव" म्हूण ते कितल्याय पैसल्यान वळखतात. "हो दीवचो, हो सिद्दी लोकांचो, हो कोची कारांचो" म्हूणय ते सांगतात. अशे तरेन विचार करत ते भाटांतल्यान घरा वटेन आयले. घरा उंगणांत पावतना "ह्या वर्सा सिद्दी लोकांले पडाव आयिल्ले दिसनात. कोटेश्वर जात्रेक आतां आनी कितले दीस उरले? तेन्ना खाजूर पावत काय ना? सिद्दी लोक आयले नात जाल्यार खाजूर येतलो कसो?" म्हूण तांकां विचार आयलो. तशे ते विचार करत घरांत आयले.

पयल्या दिसा कांयच घडले नाशिल्ले भशेन ऐताळान "सरसोती, आज बंदरार दीवचे धा-पंद्रा मचवे पावल्यात. त्या मचव्यांर नाल्ल, सुंभादोरी आनी राजू खूब येता. ह्या वर्सा नाल्ल सवाय जातलोसो दिसता." म्हळें.

"नाल्लां दर देंवल्यार आमकां कांय लुकसान ना! आमचे कडेन विकपा इतले नाल्ल खंय जातात? भाताक मात दर येतलो!"

"दर कसलो? कालमेरेन चार पावल्यो आशिल्लो. हे मचवे आयिल्ले पळोवन एके मुडेक स पावली तरी मेळ्ळयार जाताले." तांणी म्हळें आनी तशेच तळयार न्हावपाक गेले.

दनपारचें जेवण जालें. सगळी समाधानांत आसात अशें दिसलें. फाल्यां परां जाल्यार वांयंगण शेत रोवपाचो वावर आसा. कुळीद वा तीळ बी रोवपाक जाता. तांणी जरी सांगलें नाशिल्लें तरी सूर शेतांत नांगर भोंवडावन गेल्लो. अशा वेळार भावा मुखार दोन नवे विचार मांडपाचो सरसोतीन विचार केल्लो. पोसको घेवचो आनी विल्ली म्हस विकत घेवची. पूण हांतलो खंयचो पयलीं सांगप? भाताक दर येत जाल्यार तो म्हशीची खबर आयकतलो, ना जाल्यार ताका सांगपांत अर्थ ना. "म्हस घेवप म्हळयार तीसेक रुपय तरी नाकात? कोणा कडचे आमकां देणे येवपाचे आसा काय कितें?" म्हूण तो म्हणटलो. ते परस पोसको घेवची खबर काडची बरी म्हूण तिणें थारायलें.

त्या दिसा भावाक चौकेर पांय ताणून बशिल्लो पळोवन, लागीं येवन सरसोतीन "अण्णा, तुगेलो विचार कितें?" म्हूण विचारलें.

"कसलो विचार म्हणटा तूं?"

"हांवें उलोवचो विचार न्हय तो. तरी पूण सांगतां. तुका जाय जाल्यार आयक, ना जाल्यार सोड."

"कितें तें सरळ सांगपाक जायना तुका?"

"तशें न्हय. हें पळय, हो जीव सदांच खंय आमकां मेळटा? फाल्यां कोणेंय दोळे धांपल्यार, पिंड सोडपी कोणूय तरी ह्या घरांतलो म्हळ्ळो आसपाक जाय न्हय? आतां तुका जायतें उत्पन्न आसा. तें पळोवन कोणूय तुका एक पोसको दिनासतना रावत?"

ही सुचोवणी सरसोतील्या तोंडातसून येत अशें ऐताळांक दिसलें नाशिल्लें. पूण हाजो तांणी विचार केल्लो. ही खबर चलता म्हूण भितर आशिल्ली पारोतीय भायर येवन वणटीक तेकून उबी रावली. घोवाली जाप तिका आयकुपाची आशिल्ली.

"सरसोती, तुका पिशें लागलां? कोणालोय कावळो आमगेरचो कीर करपाक जाता? ती

जावपा-वचपाची गजाल? जायत्या भुरग्यांचे दत्तक विधी हांवें केल्यात. सगळे कडेन एकच तरा! दत्तक घेतिल्ल्या भुरग्याचो स्वभाव जुळना जाल्यार मन खंतेता. आतां आमगेल्याच घराण्यांतलो कोणय आसत जाल्यार मात गजाल वेगळी जाताली.'' ऐताळान म्हळें.

''अशे तरेचो कसलोय विचार करनासतना रावप अशें तुजें मत?'' सरसोतीन प्रस्न केलो.

''देवान नशिबांत बरयिल्लें आसल्यार म्हज्या पोटांतच चलो जल्माक येतलो.'' ऐताळान म्हळें.

थोडो वेळ असोच गेलो. ''म्हगेल्या जातकांत म्हाका भुरगीं नात म्हूण आसा न्हय? तुमीच एक दीस तशें म्हळळें.'' पारोतीन प्रस्न काडलो.

''तुगेल्या जातकांत बरयलें ना म्हूण कितें जालें? म्हाका तीन भुरग्यांचो योग आसा म्हूण ब्रह्मदेवान बरयलां ते फट?''

मुखार कितें उलोवप तें सुचना जावन तांकां ओगी रावचें पडलें. तांचें मन दुसरे कडेन व्हरपाक ऐताळान ''सरसोती, अंदू गेल्ल्या वर्सा रोयिल्ल्या शेतांतच वांयगण शेत रोवंया.'' म्हळें.

''थंय वांयंगण शेत रोयल्यार एक दाणोय मेळचो ना. गेल्ले वर्स म्हूण कितें जालें? रोयिल्ल्यांतलो पावूण वांटो दाणो कोणाकोणागेरच्या कुकडां पोटांतच गेलो. थंय सुदीर वाड्या लागीं वांयंगण रोयल्यार तशेंच जाता.''

''गेल्ले वर्स तवंशीं घाल्लीं न्हय, थंय अंदू भात घालया. कुशीक थोड्यो तवंश्याच्योय बिंयो घालया. दोनाकय मेळून भोंवतणे वंय घाल्यार जाली. उरिल्ल्या शेतांत कुळीद आनी तीळ घाल्यार जाले. दाणो जरी जालो ना तरी चरोव जातलो न्हय?''

दुसऱ्या दिसा वांयंगण शेताक आनी तवंश्या पोरसाक मेळून एक बांद घालपाचो वावर सुरु जालो. ऐताळ सहकुटुंब सह परिवार आडो घालपाच्या कामाक लागले. माते धिंकळे रांगेन एकाचेर एक दवरत भोंवतणी चर काडपाचें काम तीन दीस चल्लें. चर दवरिल्ल्यान, आड्यार माती थापिल्ल्यान आनी ताजेर कांटे पसरायिल्ल्यान आडो घटमूट जालो. शेतांत भात घालें. दोन कुणग्यांत कुळीद आनी उडीद घाले. 'तीळ मात घालचेच नाकात' म्हूण ऐताळान थारायिल्लें. ''म्हाका तिळेल म्हळयार सोंसना. तशें चित्रान्न करपाक तिळेल जायच जाल्यार कोणा कडसून अर्द शिदीभर मागून हाडल्यार जालें. दिवे लावपाक उंडेल आसा, गोरवांक चरव जाय जाल्यार उडदाचीं आनी कुळदाचीं रोपां पुरो; तिळाचीं नासत जाल्यार कांय अडचण जावची ना.'' म्हूण ऐताळान म्हळें. उपकरी करपाक तरी जायत म्हूण सरसोतीन पांच पडभर अळसांदे रोयले.

कुळीद, अळसांदे, उडीद घाल्यार भोंवतणे आडे घालपाक जाय. शेजारच्या गांवांतले कांयजाण कुसडेपणान तरी गोरवांक सोडटले. उदेंन्ते वटेन न्हंये पलतडेन आसपी म्हसरांक न्हंयचे आलतडेन येवन शेतांत येवपाक वाट मेळची न्हय म्हूण तरी आडे जाय.

दुसरें पीक जावचे वेळार शेताकडेन वयलेवयर वचून येत वेळ सोंपतालो. बोडको उक्तो उडोवन हातांत एक तोणो घेवन भोंवले बगर सरसोतीक समाधानच नाशिल्लें. कोणाल्याय शेतांत एक वासरूं दिसल्यारय पुरो, ताका कोसभर पैस धांवडावन येवपाची सरसोतीक संवयच जाल्ली.

तें वर्स ऐताळांच्या नशिबांत एक अडचण घेवन आयलें. भाताक तेन्ना दर आशिल्लो खरो, पूण पीक हातांत यो मेरेन आंगाची हूम गळोवन गळोवन तांचो जीव सामकोच कश्टेल्लो. सुदिरागेरचीं कुकडां भात खायत म्हूण तवश्या पोरसां लागीं वांयंगण शेत रोवपाक वचून तांकां नाका शिव जाल्लें. तांगेलें उदका तळें आशिल्लें वयल्या शेतांत. गेल्ल्या वर्सा वांयगण शेत रोयिल्लें तेवटेन. थंयसून ह्या शेता मेरेन उदाक पावपाक जाय जाल्यार तोटीन तिनशेक फावटी उदाक घालपाक जाय. थंय मेरेन दुसऱ्यालें शेतय नाशिल्लें. हाका लागून आदीं ओतिल्लें उदाक दुसरे फावटीचें ओत मेरेन जमनींत आटून ना जातालें. घालता तितलें उदाक जिरतालें.

इतलीं वर्सां ते दोणीन उदाक घालताले. आतां तितलें उदाक पुरो जावचें ना. तोटीनच उदाक घालचें पडटलें म्हूण तांणी एक तोटी तयार केली. चिमणेलाचो रिकामो डबो घेवन ताका तोंडार वांश्या कामट्यो बसोवन ती तयार केल्ली. भायर जाल्ल्या वेळार पारोतीन बशिल्ले कडेन एक राजू केलो. भावान आ़नी भयणीन तळयाकडसून शेता मेरेन एक चर काडिल्ली.

दुसऱ्या दिसा गोपी-चंपीक घेवन पारोती दोंगरार गेली. हेवटेन तळये धडेर भाव आनी भयण दोनूय हातांन तोटी धरून कामाक लागल्यांत. तोटी भरप आनी ओतप एक सारकें चलत आसा. दनपारचें तांणी काम सुरु केल्लें तें सोंपमेरेन एक पार रात जाल्ली. ऐताळांचीं भुजां आनी हात दुखताले. उदाक शेता मेरेन पावलें काय ना तें पळोवपाक तीन तीन फावटीं ते वचून आयिल्ले. उदाक पावतलें कशें? तें जमनीर नव्यानच उदक व्हांवत आशिल्ल्यान, चरीच्या पोंता मेरेनय तें उदक पावलें नाशिल्लें.

दोणीन उदाक घालचे परस तोटीन उदाक घालप सोपें म्हूण ते रातीं ऐताळान आनी सरसोतीन थारायिल्लें आसतनाय, सकाळीं "हातान आतां कांयच काम जायना" म्हूण ऐताळ हाताक तेल लावन घेत बशिल्ले. पैऱ्यान उदाक घालपाचो तांगेलो विचार ना जावन तीन दिसान एक फावटीं उदाक घाल्यार खूब जालें म्हूण म्हणचे कडेन ते पावले. हें काम भाव करपाक शकचो ना म्हूण भयणीक दिसलें. आज पारंपळळी, फाल्यां मण्णूर, परां सालीग्राम अशें एकेक कडेन वचपाचें निमित्त सांगून ते काम चुकोवपाक लागले. तांच्या बदलाक आतां पारोती उदाक घालपाक येवपाक लागली. सुराल्या निमाण्या चल्याक "पोरा, आमगेले गोपीक आनी चंपीक हांगाच चरपाक व्हरून हाडल्यार तुका पापड दितां" म्हूण तिणें सांगलें. त्या पोराक बामणाले पापड खावपाची रूच लागिल्ल्यान गोरवांक व्हरपाक तो तयार जालो.

कितलेय त्रास जाले तरी नण्डेन आनी भावजेन तोटेन उदाक घालपाचें काम दुसऱ्यांचेर सोंपयलें ना. दुसऱ्यां कडसून कामां करून घेवन तांकां भात दीत रावल्यार घरांत उरतलें कितें?

संक्रांती वेळार वांयंगण शेत पिकलें. तेवटेन कुळीदय काडून जाल्ले. अळसांद्या आंकऱ्यांची भाजी वेले वयर जावपाक लागली. पयऱ्यान ती आसतालीच. एक दोन दीस 'भाजी बरी जाल्या हां' म्हूण ऐताळ जेवले. पूण कांय दिसांत ती तांकां बरी लागना जाली. ते भाजेचो बेजार येवन ती खावचीच नाका म्हूण तांकां दिसत म्हळळे भिरांतेन ती भाजी उपरांत केली ना. पूण काव घालून केल्ले जमनीर घांसून ती जमीन तुकतुकीत करपाक त्या

पाल्याचो उपयोग जावपाक लागलो.

दर वर्सा परस हें वर्स तांकां चड बरें दिसलें. ऐताळान केल्ल्या अदमासा प्रमाणेच भाताक दर आयिल्लो. पांच पावली दरान घेवपाक सुंदर शानभोग जाय ते फावटीं येवनय तांणी ताका भात दिलें नाशिल्लें. उपरांत संक्रांती वेळार तें स पावली दरान विकलें. त्या वर्सा गोंयांत खूब तांदूळ पावलो. जो दर सांगता त्या दरान दीवकारांनी तांदूळ घेतलो खंय. कुळिदाकय बरो दर आयलो. घरांत खावपाक आनी बिंया खातीर जाय तितले दवरून उरिल्ले सगळे विकून उडयले. उडीद तशे जास्त जाले ना. अळसांधा सांगो इल्यो इल्यो सदां मेळत आसताल्यो. हे दोनय विकपाचे न्हय; घरांत खावपाक जाय.

शेता उत्पन्नांतल्यान ऐताळांक दोन-अडेचशें रुपय तरी आयले आसतले असो सुरालो अदमास. तांकां बरें उत्पन्न आयलां म्हूण सुरान आपलो खंड तांकां दिवपाचो दवरलो ना. जुस्ता जुस्त दिलो. हिशेबा परस एकय मुडी तांदुळ उणे दिले नात. ताका लागून ऐताळ खोशेंतच आशिल्ले. होच वेळ बरो आसा अशें दिसून सरसोतीन म्हस घेवपाचो विशय काडचो केलो. ''ताक खायनासतना इतले दीस गेले नात? आतां म्हशीचें धंय खावन जावपाचें आनी कितें आसा? शेणा खातीर गोठ्यांत आसात तीं गोरवां पुरो. गाय आसल्यार गोठ्याक जी सोबा आसता ती म्हशीन खंय येत?'' म्हूण ऐताळान सरसोतीले सुचोवणेचेर एक वेदांतच सांगलो. ''तुगेल्या ताकाची म्हाका कांय गरज ना.'' म्हूण सरसोतीन रागानच म्हळें.

○

4

मकर संक्रांत आयली आनी सालिग्रामची जात्रा जाली. ते जात्रेक सरसोती, पारोती सगळीं गेल्लीं. देवाक नाल्ल, केळीं दितना तें वर्सा शेताचें उत्पन्न चड आयिल्ल्याची सरसोतीक याद आयल्या बगर रावली ना. तिणें "मुखावेलें अशेंच चलय" म्हूण मुखेल प्राणदेवाकडेन मागून घेतिल्लें. आतां ऐताळालें शेता काम सोपिल्लें. कुळीद, उडीद काडून जाल्ल्यान जमीन मेकळी जाल्ली. अळसांद्या आंकऱ्यो चारपांच पटीं काडून जाल्ल्यान वाली हुमटून उडयिल्ल्यो. आतां तवंश्या पोरसांतलें काम मात उरिल्लें. हालीं वत मात खूब तापतालें. जमनीर पांय दवरपाक जाय नाशिल्ले. तवंश्या वालीक आदल्या दिसा सांजे उदाक शिंपूनय आज पळय जाल्यार पानां सगलीं बाविल्लीं दिसतालीं. गांवची जमीन उदकाक सामकी तानेल्ली! जमनीची ती दशा पळोवन आनी खर धग अणभवन हे वर्स तळयेंतलें उदाकय सुकत काय म्हळळी सरसोतीक चिंता लागिल्ली. ती विचार करता तें पळोवन पारोतीन "पिशेपणां हीं! तूं आतांच अखंदेता कित्याक? बीं घालपाक अजून म्हयनोभर आसा. देवान मनार घेतल्यार तो वेळ मेरेन एक दोन पावसा झड पडची ना? संसार पाडव्याक तसो पावस झडटाच न्हय?" म्हूण तिका समाधानाचीं चार उतरां सांगलीं.

पोरसांत जाल्लीं तवंशीं भावजेन आनी नण्डेन घरांत हाडलीं. पोरसांत एक कुंवाळोय जाल्लो. तळ्टमाडाचीं सुकीं चुडटां घेवन तातूंत तवंशीं गुटलावन एकेक खांब्याक वा खुंटेक बांदलीं. सगळे जागे बांदून सोंपले उपरांतय शंभरेक तवंशीं उल्लींच. तीं तशींच जमनीर दवरल्यार कुसतलीं, कोणाकय विकल्यार बरीं अशें सरसोतीक दिसलें. कुंदापुरा सांतेक व्हेल्यार चार पैशे चड मेळटले. पूण तीं धा बारा मैल व्हांवोवन कशीं व्हरप?

तिणें सुराकडेन हेविशीं म्हळें. कित्याक कोण जाणा, पूण ही गजाल ताणें गोविंद मेनिया कडेन सांगली. मुखाल्ल्या शेनवार दिसा तो कुंदापुरा वचपाचोच आशिल्लो खंय. ताणें तीं व्हरपाचीं म्हूण थारायलें. "तवंशीं दिवन दुडू हाडनासतना चार मण कणगांच हाड," म्हूण ताका सागंलें. आयतार दिसा तो परतून आयलो. "चार मण कणगां मेळळीं नात; तीनच मण मेळळीं." म्हूण ताणें हाडिल्लीं कणगां घरांत ओतलीं.

कणगां हाडलीं तशें कणगां पापड करपाचें येवजलें. वांगडा उडीद आनी अळसांदे दळून हाडल्यार तांचेय पापड जातात. पोरसांत जाल्ल्या कुंवाळयाचें कितेंय तरी करपाक जाय. उडीद घालून ताज्यो वड्यो करपाक जातात. शेतकाम सुरु जावचे आदीं लोणचें एक करून उडयल्यार काम जालें. हे सगळे घरांतल्या बायलांचे विचार. संक्रांत जाली आनी लग्न, शांती, समराद्ना म्हणत राम ऐताळ घरा घरांनीं भोंवपाक लागले. सूर्य मात्यार तापमेरेन तांगेल्या पांयांक जमनीची हुनसाण लागना. सक्काळफुडें ते नेमिल्ल्या घरांत वचून पुजा करताले. जेवपाक जंय मेळचें आसता थंय ते भर दनपारचे वताले. दनपारचें जेवण पोट भरून जाल्यार राती जेवणाचो हुस्को उरनाशिल्लो. ते घरा पावतना

रात पडून एक पार जाल्लो आसतालो.

तो फाल्गूण म्हयनो पापड, वडी करपांतच सोंपलो. सरसोती आनी पारोतीन दाळ धुवप, सुकोवप, दळप हीं सगलीं कामां करपाक जाय. वांगडा सदांचीं कामां आसातच. दूद मेळना जालें तरी गोरवांची सेवा करपाकच जाय. हो गोंदळ आसतना लोणचें घालपाक सवड कशी मेळत? तशें ·पळयत तर ऐताळांचीं आंब्या झाडां नात. खंयच्यान तरी आंब्या तोरां हाडून लोणचें करपाक जाय. नस्त्या वेळार मळबार कुपां आयिल्ल्यान त्या आवाऱ्या वाठारांत कोणाल्याच आंब्याक तोरां लागलीं नात. पूण लोणचें करनासतना रावल्यार पावसा-दिसांनी तोंडाक लावपाक कितें? तवंशें कापून ताजें गरजे पुरतें लोणचें केल्लें तें सोंपलें. चाक्याचेंय लोणचें केल्लें तें सोंपत आयलां. गीम सोंपमेरेन तें कशेंबशें पावत अशें दिसतालें. पूण मुखार कितें?

सरसोतीक लोणच्याचो व्हड प्रस्न पडलो. एक दीस उलयतेर बशिल्ल्या वेळार सूर थंय पावलो. "सुरा, आमगेलें लोणचें करपाचें तशेंच उरलें पळय." म्हूण तिणें ताजे कडेन म्हळें.

"बामणां जिबेची तोखणाय चड करतात्! आमी लोणचें खायनासतना रावनात?" सुरान हांसत म्हळें.

"अरे सुरा, हें तू बरो उलयलो. पूण तूं आमगेर आयिल्ल्या वेळार तानेक दी म्हूण मागता तेन्ना फकत उदाक दिल्यार तुगेले तोंड ल्हान कित्याक जाता तर!" पारोतीन मुखार येवन म्हळें.

"हें मात खरें. एक लोणच्या कुडको आसल्यार दोन पाव तांदळाचें शीत मटमटीत जेवपाक जाता. पूण अवंदू आंब्या तोरांचें तोंड तरी कोणें पळयलां? शिवरात्र मेरेन शीं तरी पडलां? पैर संक्रांती वेळार हांव घांटार पाविल्लों. थंय मात राती न्हिदतना कांबळ घेवची पडली पळया. पूण हांगा सामको धग. दोस रात मळबार पळय जाल्यार कुपांच कुपां. ताका लागूनच हांगचें आंब्या फूल करपलें."

"सुरा, तशें जाल्यार वेल्या गांवांत तोरां मेळतीत व्हय?"

"वेल्या गांवांत आनी तोरांक दुकळ केन्ना लागता? एक कडेन ना जाल्यार दुसरे कडेन आसतातच. थंय तोरांक कोण विचारता? रानांत जाय तितलीं झाडां आसतात. पूण त्या वेल्या गांवांतलीं तोरां हांगा पावतलीं कशीं? तितले पैस चलत वचपाक जाय न्हय?"

आपणाल्या मंदर्तिच्या घरा पलतडेन आशिल्ल्या दोंगरार खूब आंब्या झाडां पळयिल्ली सरसोतीक याद जाली. थंय गेल्यार जाय तितलीं तोरां हाडपाक जातलीं अशें तिका दिसलें. दोन दीस काम केल्यार जितलें भात मेळटा तितलें भात दितां म्हूण सांगून सुराक आनी तागेले बायलेक फुसलावन, तांकां घेवन वयल्या गांवांत वचपाचें सरसोतीन थारायलें. दुसऱ्याच दिसा सक्काळीं तांकां घेवन ती गेली. सकाळ जा मेरेन तीं बारकुरांत पावलीं. थंयसून ईशान्येक कोस, दोन कोस वचून दोंगरार भोंवलीं. तांचें भोंवप फुकट गेलें ना. तीग जाणांक व्हांवोवन हाडपाक जातीत तितलीं तोरां कोगळयान ओडून काडलीं. धनी नाशिल्लीं झाडां! पिकल्यार माकडांकय नाका जावपा इतलीं थंय तोरां जाल्लीं.

इतलो वावर जाता मेरेन वेळ मात्यार आयिल्लो. वताचो राप मारिल्ल्यान हुमेन

थपथपीत जावन खरशेत "कोणा बामणाचें घर लागसारा आसा काय" म्हूण चवकशीं करत मात्यार वजीं घेवन तिगांय भोंव भोंव भोंवलीं आनी वाट चुकून तोरां काडिल्ल्या झाडाकडेनच परत येवन पावलीं. त्या वाठाराक दोन गाळी सवन तांणी जाल्लो संताप उणो करून घेतलो आनी उपरांत अस्तमते दिकान चलत गेलीं. लागींच एक घर दिसलें. त्या वळख नाशिल्ल्या घरा आंगणांत वजीं देंवोवन घरकारा कडसून एक तांबयो मागून घेतलो, बांयचे उदक काडून तोंड धुंवन घेतलें आनी पिवपा खातीर उदाक घेवन आयलीं. तांगेली तांबडीं जाल्लीं तोंडा पळोवन, तांची काकुळट् येवन, घरकारान तांकां थोडें गोडय दिलें.

"सूरा, पैलीं थोडें उदाक पी. हांवें हे फोव हाडल्यात. ते भिजोवन खाल्यार जेविल्ले भशेन पोट भरता." सरसोतीन म्हळें. उदाक पिवन जालें. थोड्या वेळान भिजयिल्ले फोव खावन घेतले. माटोव घाल्ल्या त्या आंगणांत आड पडिल्ल्यान झांपड लागली. जेन्ना जाग आयली तेन्ना सरसोतीक भिरांत दिसली. "दीस पळय सकल देंवपाक लागलो. आज चान्नेंय ना. सूरा बेगीं ऊठ" म्हूण बोवाळ करत ताका आनी तागेले बायलेक तिणें उठयलें. वजीं मात्यार घेवन तीं चलपाक लागलीं जाल्यार पांय जमनीर दवरपाक जायना. मात्यावेलें वजें आनी जमनीची हुनसाण हाका लागून एक मैल चलप म्हळयार तीन मैल चलिल्ले भशेन खरस मारताली. आंग सगळें धोडायिल्ले भशेन जालें. चमकता तितली वाट सोंपना. जंय सांवळी दिसता थंय विसव घेवन उदाक पिवप, परतून मुखार चलपाक लागप, अशें करत दीस बुडप्रा वेळार कशीं बशीं सास्तानांत पावलीं. घरा पावपाक अजून तीन चार मैलांर आसतना जाल्लो त्रास सोंसपाक जाय नासतना "आमा, आमचेंच आतां लोणचें जालां" म्हूण सुरान हांसत म्हळें. सगळयांक तेन्ना हांसो आयलो. सुराक फुसलावपाक म्हूण सरसोतीन "सुरा, एक ल्हान भरणी भर लोणचें तुका हांव दितां. तें खाल्यार मुखाल्ल्या वर्सा म्हजे परस पयलीं वयल्या गांवांत आंब्या तोरां हाडपाक तूं धांवतलो" म्हळें.

"मुखाल्लें वर्स मेरेन जितो उरल्यार मूं?"

"अशें कित्याक म्हणटा तूं?" सरसोतीन विचारलें.

"आमा, लोणचें एक उरल्यार जालें? जेवपाक तांदूळ नाका? पावसाळयांत पणसा भिकणां, कणगां बी शिजोवन खातल्यांक लोणचें कित्याक उपकरता?" म्हूण सुराले बायलेन म्हळें.

"हें वर्सय तशेंच म्हणटा तूं? तूं दोन मुडेचें शेत रोयता. दर वर्सा परस तीन मुडीय तांदूळ जास्त जाले नात?" सरसोतीन विचारलें. सुरान जाल्ल्या उत्पन्नाचो हिशोब करून "खंड दिवन गरिबाक उरता तें फकत तण." म्हूण तिका पटोवन सांगलें."हांगा अस्तमते वाठारांत खंड चड दिवचो पडटा" हें सरसोतीकय पटिल्लें.

उलोवपांतच सकाळ जायत म्हूण तीं परतून चलपाक लागलीं.

तांकां घरा पावता म्हणसर रातीचो एक पार जाल्लो. तांणी वजीं सकल देंवयलीं. एक खर ख्यास्त सोंपली अशें तांकां दिसलें. सरसोतीन मान हेवटेन·तेवटेन धुंवडायली. "आगे पारोती, सुराक पयलीं गोड आनी उदाक दी. काकुळट बैङ्याची; ताका तोरांय पुरो जालीं आनी लोणचेंय पुरो जालें. ताकाच कित्याक? म्हाकाय तशें जालें..." तिणें

म्हळें.

तानेक घेवन जालें तसो जीव जरा थंड जालो. सूर बायले वांगडा घरा गेलो. "अण्णा अजून आयलो ना?" सरसोतीन विचारलें. "केन्ना येतात कोण जाणा! वतना कांयच सांगलें ना. हात सपासप हालयत गेले." पारोतीन जाप दिली. "आमगेल्या अण्णाक बायलां म्हळयार कोनश्यांतल्या कोयरा भशेन. ना जाल्यार भायर वतना अमके कडेन वतां, अमक्या वेळार वतलों, अमक्या वेळार पावतलों म्हूण सांगल्यार हाजी गांठ सरता?" सरसोतीन संतापान म्हळें.

"सरसोती, तूं न्हावपाक चल. आंब्या तोरां व्हांवोवन तुगेलें आंग दुखलां आसतलें. इल्लें उदाक तापोवं? आंग सणसणिल्ल्या वेळार हून उदाक आंगार पडल्यार बरें न्हय? न्हावन जातकच दोन वडे खा. तूं जेवतली काय ना हें कळ नाशिल्ल्यान उडीद थोडे वांटून तातूंत आळवा पानां कोचोल घालून वडे केल्यात. कशे जाल्यात कोण जाणा!"

"कशे कित्याक जातले? कायलेंत जाय तितलें तेल घालून सारके भाजून काडल्यार ते बरे रुचीक जातात. तूं जेवली काय ना?"

"बेजार येवन हांवें रांदलें ना. म्हाका दोन आनी तुका दोन अशे चार दाळीवडे केल्यात. तूं आयल्या उपरांत खाल्यार जालें म्हूण वाट पळयत हांव बसली. शंभर पंचाक्षरीय म्हळीं. एक न्हीदय जाली... तूं पांय धुवन यो. भाणांत उदाक भरिल्लें तशेंच आसा. एक उज्या कापटी घालून येतां. रोखडेंच उदाक तापतलें.'

"हून उदाक नाका सायबिणे. ह्या धगांत थंड उदाकं न्हाल्यार जिवाक बरें दिसता."

"तुज्या आंगांत हूम देंवता ती सांगची न्हय. थंड उदाक न्हाल्यार थंडी जायत. चड हून उदाक नाका जाल्यार धकशें उदाक घे. आतां म्हणपा इतलो धग ना."

अशें म्हणत पारोती न्हाणये कडेन दिवो घेवन गेली. तिजे फाटल्यान सरसोतीय आयली. पत्रो घालत पारोती रांदनी सामखार बसली. थंयच लागीं बसून सरसोती आंब्यातोरां हाडटना केल्ल्या साहसाचीं वर्णनां करपाक लागली. "आज कांय ना म्हळयार आमी वीस पंचवीस मैल तरी चमकलीं. तें कसल्या वतांत जाणा?... आमी हांगा आंब्या तोरां नात म्हूण रडतात; थंय वयल्या गांवांत मांकडांकय तीं नाकात. पोत्या-पोत्यांनी तोरां लोंबकळटात, झाडा तेंगश्यो मोडत काय दिसतात."

"वयल्या गांवाचें तशेंच. थंयचे मातयेचो गूण तो. आंबे, पणस, केळीं कितेंय थंय लाय, कितलें बरें जाता. दळदिऱ्या मांकडांचो एक त्रास नासतालो जाल्यार वयले गांव म्हळ्यार स्वर्गच."

"माकडां त्रास हजार वांट्यान परवडलो, पूण थंयच्या जोराचो तापत्रय कोण सहन करत? वर्सांतल्यान स म्हयने त्या जोरान कुडकुडत न्हिदून काडपाक जाय. त्या जोराची याद जाल्यारच भिरांत दिसता. ह्या आंब्या तोरां सोंसान हांव थंय कशी गेली काय म्हूण म्हजें म्हाकाच आतां अजाप जाता."

"तुका पिशें लागलां सरसोती. जोर वो रोग जावपाक वयलो गांव सकल्लो गांव दोनय सारकेच. जोरान फडफडपाक जाय म्हूण देवान कपलार बरयिल्लें आसल्यार तें कोणाकच चुकोवपाक जायना."

अशे तरेन उलयत बशिल्ल्यान भाणांतले उदाक धकशें जावचें तें खतखतलें केन्ना तें

कळ्ळेंना. सरसोतीन ताका हात लावन पळयत "आवयस, उलयतां उलयतां उदाक तापलां काय पळोवपाचें लक्षांतच आयलें ना. हें थंड करपाक कोण बाये आतां उदाक व्हांवयत?" म्हूण सरसोतीन म्हळें. "कोणे हाडचें नाका. तापलें जाल्यार तापूं, आंग काय म्हजें लासचें ना" म्हणत ती न्हावपाक उतरली. उदकाचो पयलो तांबयो आंगार ओतलो मात, "आवयस," म्हूण तिणें उद्‌गार काडले. पारोती धांवत वचून दोन घागरी उदाक घेवन आयली. तें भाणांत ओतले. उदाक न्हावपाक समा जालें.

सरसोतीचें न्हावन जालें. पूण न्हातनाय तांगेल्या उलोवण्याक विसव मेळ्ळो ना. तशींच दोगांय रांदचे कुडींत गेलीं. नेमा प्रमाणें वेगिवेगीन एकशें आठ "ओम् नमः शिवाय" सोंपोवन उडदा दाळीचे वडे खावपाक तीं बसलीं. "रुचीक जाल्यात म्हूण जावंये, इतले व्हड दोन वडे खावनय पोटाक खाल्ले भशेन जालें ना" वडे खावन सरता आसतना सरसोतीन म्हळें. पारोतीन वडे खावन धेंकर काडिल्ले. ते धेंकर थांबोवपाक ती उदाक पिताली. तिका हांसो आयलो. "हांव पळय कितली पिशीं! तुजें दनपारां जेवण जालें नाशिल्लें हें जाणा जावनय सारके मेजून चारच वडे हांवें करपाक जाय आशिल्ले?" अशें म्हणत ती उठली आनी धांवतच वचून थोडे फोव उदकांत भिजोवन ताका मिरसांगे पिठो आनी मीठ लावन हाडलें. "दोन ओल्यो मिरसांगो चिरून दितां. ते परस थोडो लोणच्या खळच हाडटां." म्हूण ती घेवनय आयली.

"अगे म्हारायते, हांव कितें बकासुराले गाडेवेलो भीम!" म्हूण सरसोतीन वेल्या उपचाराक म्हळें खरें, पूण कालयिल्ले सगळे फोव, खळ मेळोवन खावपाचें मात सोडलें ना. तिका खळाचे तीखसाणेन चार खिळ्ण्योय आयल्यो.

अशे तरेन सरसोतील्या पोटाक थाकसाण मेळ्ळी. आतां न्हिदया म्हळयार नदरे सामखार तोरां भरिल्ले पांटले दिसपाक लागले. तीं तोरा तळयेर व्हरून घुवन हाडलीं आनी चौकेर पातळावन घालीं. पातळायनासतना तशींच पाटल्यांत दवरिल्लीं जाल्यार तीं घुसघुसता आशिल्लीं. तेन्ना दोगांक मातशी उमेद आयिल्ली जाल्यार लोणचेंय घालून मेकळी जातालीं तीं! तांकां पुरो जाल्लें ते बऱ्याक पडलें. एकेक शेंद्री घेवन दोगांय न्हिदलीं. फाट शेंदरेक लाग मेरेन सरसोती न्हिदून पडली. पूण पारोतील्या मनांत एक प्रस्न घोळटालो. "मांडावेलें मीठ हाडून तोरां करमेवपाक घालचीं काय न्हंयतलें उदाक खतखतावन?" सरसोतीक विचारया म्हळयार ती न्हिदिल्ली. काकुळट बाबडेची, कितलें पुरो जालें आसतलें कोण जाणा!" अशें म्हणत ती आपूणय न्हिदली.

दुसऱ्या दिसा फकत लोणच्याचोच बोवाळ. गरज नासतना मांडावेल्या मिठाक पैशे घालचे नाकात म्हूण न्हंये उदाक आटोवन मीठ करचें म्हूण पैलीं विचार आयलो. पूण आंब्या तोरां घरांत येवन पडिल्लीं आसतना त्या राटावळीं खातीर फुकट वेळ होगडावपाचो नाका म्हूण मांडावेल्यान हाडून घरांत दवरिल्ल्या मिठाकच हात घालचो पडलो.

आंब्या तोरांक मीठ घालून जालें तशें, पावसाळयांतली अर्द काळजी तक्लेंतल्यान गेली अशें सरसोतीक दिसलें. मिचकूट घालें तशी काळजी पूर्णतायेन सोंपतली.

गिमातलें वत तापत गेलें. संसार पाडवो येवचो पैलींच दनपारच्या वेळार जमीन तापून तळपेताली. चैत्र सोंपून वैशाख आयलो तेन्ना तर सांगपाचेंच न्हय; वता धगान सकाळसाकून सांजमेरेन मळब गोबरा रंगाचें दिसतालें. तातूंत धवीं कुपां नाचपाक लागिल्ल्यान तर

घरा भायर आनी भितरय हुमेचो लोट लागिल्लो.

घरा फाटल्या आवाऱ्यार शेंदरी पातळावन रेंवे राशीर न्हिदल्यार रातच्या वेळार थंड वारो लागून न्हीद इल्ली लागता. घरा भोंवतणी रेंवेची रास भरिल्ली आशिल्ल्यान ऐताळागेर दिसा-उजवाडात धगाचो त्रास जाता तो सोंसपाचो न्हय.

हो कडक गीम पळोवन सरसोती आनी पारोतीक वेगळीच चिंता लागली. भाताचो तरवो घाल्ल्या कुणग्यांची गत कितें? शेताक कितलेंय उदाक घालें तरी थोडेंच जातालें. तळयेचें उदाक आटिल्ल्यान, नुस्तें धरपी मोगेरांक मात बरे जाल्लें. उदाका आशेन तानेल्ल्या तरव्यांच्यो पाचव्यो पातयो तांबश्यो जाल्यो. सरसोती तर त्या तापिल्ल्या वतांतय दिसाक चार पटीं तरवो घाल्ल्या कुणग्यां कडेन वचून येवन "गांवचो गांवच मसणवट जालां. येत्या पावसांत भाता बीं घालचें पडटा अशें दिसता. ताजे खातीर म्हूण थोडें बीं दवरपाक जाय आशिल्लें." म्हूण म्हणटाली.

ही अडचण आसतनाच राम ऐताळांक नाका तें येवजलें. त्या दिसा शांती, समाराद्ना वा हेर कसलेंय जेवण नाशिल्लें देखून ते दनपारचे घरांतच जेवन "हो दळदिरो धग!" म्हूण गिमाक स्राप दीत चौकेर जमनीरच आड पडिल्ले. पोटभर जेविल्ल्यान एक न्हीदय जाल्ली. वर, अर्दवर न्हीद जावन जांवय काडत घरा मुखारच्या माटवा कडेन तोंड करून "अगो सरसू, हो वेंतभर माटोव आसलोय एक आनी नासलोय एक! घरांत मल्लांक दुकळ ना; उणीं पडल्यार मागूनय हाडपाक जातात; आंगणभर एक माटोव घालून उडोवया. आंगणांतली जमीनय तुकतुकीत सोबीत करपाक जाय." म्हळें

सरसोतीय तेन्ना अर्दवट झेमेंत आशिल्ली. तिणेंय जांबय काडत "अण्णा, तुका दुसरो धंदो ना? आंगणभर माटोव घालपाक कोणाली मुंज आसा, काय कोणालें लग्न? अण्णा तुका नाका जाल्लेंच एकेक येवजता!" म्हळें. तिगेलीं उतरां सोंपतेर आसात इतल्यांत जांबय काडत तोंडा मुखार हाता बोटान चिमटी वाजयत ते उबे रावले. कमराक एक परकाळो गुटलावन, मात्याक वाल्याचो कुडको बांदत वतांतच घरा मुखार, फाटीं, हेवटेन, तेवटेन भोंवडी मारपाक लागले. त्या खर वताक लागून तांगेल्या आंगावेले ल्हंवे कुशींतल्यान हुमेकण भायर सरत आशिल्ले. अशें आसतनाय कोनश्या कोनश्यांनी पळयत खांब, एळें, वांशे आनी जें जें मेळटा तें सोदून आंगणांत त्या सगळयांची रास तांणी घाली. उलयिल्लें तें हातान खरें करपाक भाव भायर सरला म्हूण सरसोतीक तेन्नाच कळळें. "तें कित्याक?" म्हूण ताका विचारचें म्हूण येवजिता आसतनाच "सरसू, सांगतां तें आयकून, परती जाप काडनासतना, कुसा झाडाचे चार दांडारे कापून घेवन यो पळोवया.' अशें राम ऐताळान म्हळें. ताणे सांगिल्लें काम करनासतना रावपांत अर्थ ना म्हूण त्या वतांतच सरसोती आनी पारोती कोयती घेवन भायर सरलीं. सांजे तीं परत आयलीं. त्या वेळार आंगणांत मल्लां, वांशे बी जायतें सामान पडिल्लें आनी ऐताळ पारय घेवन खांबे पुरपा खातीर फोंड काडत आशिल्ले.

सांजेचो तडी वारो आयलो. दीस बुडलो. "तळयेंत झर येवन उदाक आयलें आसत तर तरवो रोयिल्ल्या कुणग्यांक उदाक घालपाक जाता. तूं आदन दवरून तातूंत तांदूळ घाल, हांव पारोतीकय घेवन वतां.' म्हूण भावाक सांगत सरसोती भायर सरली. तिजे फाटोफाट पारोतीय भायर सरली. ऐताळ मनांतल्या मनांत कुसकुसत काम करत रावले.

चान्नें पडिल्लें. त्या उजवाडांतच माटवाचे खांबे पुरपाचें, आडवें एळें घालपाचें, वांश्या कांब्यो कुसवायान घट्ट बांदपाचें काम ते सावकासायेन करत आशिल्ले. मदींच ते ताकतिकेन रांदचे कुडींत वचून आयले. कुणग्यांक उदाक घालपाक गेल्लीं नणंद आनी भावज घरा पावमेरेन रात जावन देड पार जावन गेल्लो. तीं पुरो जावन आयलीं. तशींच तळयेर वचून तातूंत काडिल्ल्या एका फोंडांत बुडलीं आनी न्हावन आयलीं. घरांत येतना रांदचे कुडींतल्यान शीत लागिल्लो वास आयलो. भितर वचून पळय जाल्यार अर्दाअर्द शीत करपल्लें. उरिल्लें तें जेवपा सारकें नाशिल्लें. सरसोतीले दोळे रागान तांबडे जाले. “हाजे तकलेर आज म्हारूं बसला. कसलें माटवाचें काम? शीत तोंडांत घालचें न्हय अशें जालें तें.” तिणें म्हळें.

ऐताळ काम सोंपोवन तळयेंतल्या फोंडांत देंवले. सावकासायेन न्हाले. आंगाक जाल्लो शीण उणो करपाक तांणी तोंडान “ओम् नमः शिवाय, ओम् नमः शिवाय, ओम् नमः शिवाय” हो मंत्र आदीं व्हडान म्हणत उपरांत आवाज सावकास करत हाडलो. मदेंच एकदम व्हडान म्हणत ते थंयच रावले. वाऱ्या वांगडा करपल्ल्या शिताचो वास तांगेल्या नाकांत घुसलो. सटसटीत ते रांदचे कुडीकडेन आयले. “हें कितें? जेवपाक शितागोटो करतात, काय देंवचाराक रोंट शिजयतात?” तांणी रागान म्हळें. पारोती तोंड धांपून ओगी रावली. सरसोतील्या कानाकय तांचो गडगड आयकल्लो. ती भायर आयली. “शिता आदन मात पळय म्हळयार तें तर पळयलेंना, आतां शीत करपल्यार कोणें कितें करप? आमी आयिल्ल्या वेळारच शीत लागून तें करपल्लें; आमी ते भकोवंचें तितलें बाकी आसा” तिणें फणफणत म्हळें.

तितल्यारय ती थांबली ना. “ह्या माटवाचे तंद्रेंत आसतना तुका आमगेलें उतर आयकत कशें? शीत करपल्लें कशें समजत? तुका जाय कित्याक तो माटोव? जमाबंदी खातीर सरकारचे लोक येवपाचे आसात काय कितें? तीन दिसा साकून पांयाक सणसण मारता आसतनाय तिका उदाक घालपाक वचचें पडलें आनी तूं हांगा माटोव बांदता!” भयणीलो हो अवतार पळोवन राम ऐताळ भानार आयले. कांयच उलयनासतना ते ओगी रावले. तशेंच एका खांब्याक तेकून “राम, राम, हरी, हरी,” म्हूण जप करपाक लागले.

सरसोतीन परत शीत केलें. गोज्जू केलो. चार वड्यो भाजून पान दवरलें. तें पळोवन ऐताळ उलयनासतना येवन जेवन गेले. तांगेलो नरसिंहावतार सगळो देंविल्लो. एक पटीं वचून न्हिदल्यार पुरो जाल्लें. जेवन जालें तशें एक उशें घेवन ते न्हिदले. न्हिदता म्हणसर घोरेवंक लागले.

थंय आंगणांत माडा चुडटां रास पडिल्ली. माटवार घालपाक तांचीं मल्लां विणपाक जाय आशिल्लीं. ऐताळांक माटवाचें पिशें अशें कित्याक लागलें तें जरी पारोतीक आनी सरसोतीक कळळें ना तरी तीं दोगांय जेवन येवन एकेक चुडीत घेवन मल्लां विणपाक लागलीं. हें काम करतना तांकां झेम येताली. सकाळसून काम केल्ल्यान तांकां सोंसना जालें. तांकां बेजारय आयलो. तांतले तातूंत तांकां एक आशेचें किरण दिसतालें -“ताका पोसको घेवपाचो विचार आयला दिसता. ताका लागूनच हो बोवाळ दिसता.’ सरसोतीन म्हळें. दुसरें खंयचेंच कारण येवजनाशिल्ल्यान “आसतलें, तेंच आसतलें.’ पारोतीनय म्हळें.

झिळमिळटना ऐताळ खांकत जागे जाले. त्या मातश्या उजवाडांत आपलो हाताचो

तळवो पळोवपाचो यत्न केल्या उपरांत गजेंद्र मोक्षाचो उदयराग म्हणत ते भायर आयले. आंगणांत पडिल्ल्या चुडटांचीं मल्लां विणया म्हूण पळयल्यार तीं विणून तयार आशिल्ली. ‘‘हीं इतलीं मल्लां खंय पावतलीं?’’ म्हणत ते तशेच कुळवाड्या पोरांक सोदपाक भायर सरले. तेन्नाच शुक्र उदेल्लो! इतले बेगीं ते कुळवाड्या घरा सामखार वचून ‘‘आरे सूरा, आरे काळू, आरे हावळया, एकेक वर्जी मल्लां मेळत थंयच्यान हाडात; भात दिवचें पडल्यारय जाता, पूण एक गडगंज माटोव जावपाकच जाय.’’ म्हूण सांगत गेले.

तांतले एकदोग जाण चड शाणे आशिल्ले. तांणी ‘‘मल्लां कित्याक? माटवाक काय? माटोव आनी कित्याक आसत? समरादना आसतली. जावं, गरिबाल्या नशिबांत बामणागेरचो पायस बरयिल्लो आसा-सो दिसता.’’ म्हळें. ‘हे सुदीर अशेच. माटोव म्हळो, तांकां पायस येवजताच.’ ऐताळ हांसले. उजवाड जाय मेरेन ते घरा परतले. आंगणांत वत पावन एक पार जाता म्हणसर चार पांच मल्लां वर्जी आंगणांत येवन पडलीं. मल्लां हाडिल्ल्यांतल्या एकट्याक आपोवन ताच्या वांगडा माटवार मल्लां पातळावनय जालीं. आतां तो लग्ना माटवा भशेन सोबीत दिसतालो. ते खोशेंतच ताणें बायलेक उलो मारलो. ‘‘आगे, ह्या काळूक तांबयो भर उदाक दी आनी वांगडा दोन लोणच्यांतल्यो आंबल्योय दी.’’ तिणें ‘‘काळू, तुका गोड जाय, काय लोणच्या आंबल्यो दिल्यार जातात?’’ म्हूण विचारलें. ‘‘लोणचेंच दियात; गोड जाय थंय मेळटा. बामणागेरचें आंबलेचे लोणचें खायनासतना खूब दीस जाले.’’ ताणें म्हळें. ‘‘आमा, तुमगेरच्या लोणच्याक आसता ती रूच ह्या कोटातल्या चौदा गांवांत ना.’’ म्हूणय ताणें म्हळें.

पैरूच खळांत घाल्ली लोणच्या आंबली पाना चोळक्यार घेवन पारोती आयली. एक उदका तांबयो मुखार दवरलो. काळून तकलेर म्हारु बशिल्ले भशेन एकाच खिणांत गटगट उदाक पिवन तांबयो रिकामो केलो. ‘‘आमा, तुमचें उदाक शीतळ. आनीक इल्लें उदाक घाला. ह्या गिमा दिसांनी एक वेळ जेवपाक ना जाल्यार जाता, पूण उदका बगर मात मनीस उरपाचो ना.’’ म्हणत परतून हाडिल्लें उदाकय पिवन लोणचें सोंपयले उपरांत पारोतीलें तोंड पळयत ‘‘आमा, ह्या गरिबाल्या पोराक चार लोणच्या आंबल्यो दियात, तुमगेलें नांव घेवन दनपारचें शेंवटून जेवतां’ म्हळें. काळून केल्ल्या कामा खातीर भात काय दिवपाचें लागना म्हूण जाणा जाल्ले पारोतीन, तागेल्या रिणांत रावपाचें नाका म्हूण, नवें लोणचें दिवपाक मन जायना जावन भरणींत आशिल्लें पोरणे लोणचें पाना चोळक्यांत गुटलावन दिलें. काळून पान सोडोवन ‘आतां दिल्लें तें हें लोणचें न्हय’ म्हळें ना तें तिजें पुण्य म्हणचें.

काळूक उदाक दी म्हूण सांगून ऐताळ न्हावपाक गेल्ले. तांणी न्हावन येवन काळूल्या रिणांत रावचें नाका म्हूण ‘‘ताका पड दितां, राव म्हण सांग’’ म्हळें. काळू तसो पडभर तांदळा खातीर आयलो नाशिल्लो. तागेली नदर फुडाराचेर आशिल्ली. ‘‘येद्याश्या कामाखातीर पड आनी कित्याक?’’ ताणें म्हळें. ऐताळान काळूक उद्देशून बायले कडेन ‘‘तशें म्हळयार जाता? कामाची पड नाका जाल्यार, मल्लांचे म्हूण भात घेवन वचूं तो.’’ म्हळें.

काळू तसो बुदवंत. ‘‘आमा, भात नाका, काम जाले नंतर मल्लां परत दिवन सोडात, देवाली इत्सा आसल्यार फाल्या, परां केन्नाय जावं, ज्या दिसा जातलें त्या दिसा शेंवटून

पायस खावपाक मेळ्ळयार पुरो.' अशें म्हणत तो चलपाकच लागलो. काळून पायसाची खबर उलयिल्ली आयकून "माटवाचो हो गोंदळ पोसको घेवपाकच आसपाक जाय." अशें पारोतीक दिसलें. पुण घोवाक "कितें? कात?" म्हूण ती विचारपाक गेली ना. सरसोतीक मात जें घडिल्लें तें सांगलें.

एकेक पटी सरसोती सामकीच खर जाता. "ह्या घरांत समारादना आसा, काय शांतीकार्य आसा हें गांवावेल्या सुदीर पोरांकय कळटा; पूण दीसरात काम करपी आमकां मात कोण सांगना" म्हूण तिका दिसलें. तशें तोंड उगडून भावाक विचारपाचेंय मन जालें ना. तो "ह्या बायलांक न्हय-नसत्यो पंचायती सगळ्यो जाय." म्हणपाक फाटींफुडें पळोवचो ना हें ती जाणा आशिल्ली. ताजे कडसून तशें उलोवन घेवपाची कांय गरज ना म्हूण दोगांय ओगी रावलीं.

माटवा काम सोंपून, न्हावन दनपारां जेवणाक बसच्या वेळार मध्यान जावन चार घटका जाल्ल्यो आसत. वताक लागून वेळ आनी फुकट वचपाचो नाका म्हळ्ळे भशेन, मात्याक एक पाचवो मुकटो बांदून, किरवटीक पुडी डबी शिरकावन, हातांत पोयांसाते घेवन ऐताळ घरांतल्यान आंगणांत आयले. राविल्ले कडेनच एक चिमटी भर पूड व्हड आवाज करत नाकांत घालत "घरार नदर दवरात. तीन दीस हांव घरा पावचों ना. कळ्ळें? यो मेरेन आंगणांतली जमीन हारश्याभशेन चकचकीत जावपाक जाय. सरसू, हिका पांय सणसणतात म्हळ्ळें न्हय? तशें जाल्यार सुराले बायलेक वा काळूले धुवेक येवपाक सांग. हिका ओगी बसून रावपाक सांग. बसचे परस जाता जाल्यार पालो हाडपाक सांग. अळसांघा पालो मेळ्ळयार बरो जातलो. पूण आतां खंय मेळटलो तो... ना जाल्यार दुसरो कसलोय पालो जाता. ताणें घांसल्यार जमीन बरी दिसतली..."

"जायत, तूं चल. आंगणाचें काम कशेंय जातलें. पूण ह्या रखरखपी वतांत तूं वता तरी खंय?" म्हूण सरसोतीन विचारलें. भायर सरतना विचारलें म्हूण ऐताळांक राग येवपाक जाय आशिल्लो. पूण कोण जाणा, ते ओगी रावले. "हें वत म्हाका लागता? आवारो काडमेरेन जमीन तापिल्ली आसतली. दर्यावेळ थंड आसता न्हय?" म्हणत घरा उदेन्तेक आशिल्ली वंय कुशीक करत, ताजे वेल्यान हुपून ते उत्तरे दिकान गेले आनी उपरांत दर्या वटेन चलपाक लागले. म्हूर्त, वेळ पळोवन, ते घटकेक बरे आशिल्ले दिकेन वचपाक जाय म्हूण ते उदेन्तेची वंय हुपून गेल्ले. कांय वेळा उपरांत ते पैस पावले आनी नदरेक दिसना जाले.

सरसोतीन पारोतीक आपोवन "आमकां कितें कळना तर! ताजे खातीरच हो माटोव! आमी सांगिल्ल्या वेळार पोसको नाका म्हणटालो न्हय? आतां पोसको घेता म्हणपाक लज दिसता जावंये. न्हंये पलतडेक वचून बेंग्रेतसून तोन्से बिन्सेक वतलो दिसता. पूण कोणागेरचो जायत काय हो पोसपाक घेवपी भुरगो!"

"तीन दीस येवपाचे नात म्हणटाले न्हय?"

"वांगडा लग्नाचें भटपणय आसतलें. पळय, ह्या भावाक घरांतलीं बायलां म्हळ्यार कोयर. आतां आंगण घांसून हारसो करपाक आमी जाय. कितें, कात, म्हूण सांगपाक मात कोणच नाकात." सरसोतीन बेजारान म्हळें.

उपरांत तांकां विसव मेळ्ळो ना. तीन दीस मात्र आसात. तो वेळमेरेन आंगण हारसो जावपाक जाय. ताजे खातीर शेता माती, तांबडी माती, काव बी खंयच्यान कशी हाडची, कामा वेळार कोणाक वांगडाक घेवचे आदी विचार करत तीं वावराक लागलीं.

○

5

आंगण तयार करपाचें काम सरसोतील्या मात्यार पडलें. पूण पारोतीचें कितें? 'ओगी बसून राव' म्हूण घोवा सायबान सांगिल्लें जरी आशिल्लें तरी तिका बसून रावपाक जाता? आंगण हारश्या भशेन जावपाक जाय म्हळां हाजो अर्थ ही तयारी कसल्या तरी मूजबीज असल्या शुभकार्याचीच आसपाक जाय न्हय? शुभकार्य म्हळयार पापड, वडी जावं नाकात? खावपाक म्हूण दवरिल्ले पापड, वडी असल्या व्हड जेवणाक पुरो जातीत? हो विचार तिका पडलो. ते घरांतल्यान भायर गेले तशें तिणें "सरसोती, कितले उडीद वताक घालचे? फोवा खातीर कितलें भात भायर काडचें?" म्हूण विचारलें. सरसोती कितें जाप दितली? कोणाक विचारतली? "जेवणाक कितलीं पानां आसतलीं? कसलें कार्य? हें कांयच ताणें सांगलें ना. तुका जाय कित्याक ताजी उसाबर? सांगलां तितलें काम करया." तिणें जाप दिली. "तांचे वागणुकेन कितलेंय वायट दिसलें तरी आमगेरचेंच काम न्हय? करनासतना रावपाक जाता?" पारोतीन म्हळें. दुसरो उपाय ना जावन "ह्या आंगणांत कितलीं पानां वाडपाक जातलीं?" म्हूण ती विचार करपाक लागली. "दोन-तिनशीं पानां धरतीत" अशें दिसलें. पूण कितल्यो पंगती आसतल्यो म्हळें कळपाक कांयच मार्ग ना जाल्ल्यान अदमास करत बसपात अर्थ नाशिल्लो. तरी हजार जाणांक वाडपाक पुरो जाता तितले पापड, वडी करपाक जाय अशें तांणी थारायलें.

हें इतलें काम घरांतल्यांकच करचें जमपाचें ना अशें दिसून. शेजारच्या उपाध्यायाले बायलेक -आक्कम्माक- आपोवचोय विचार तांणी केलो. "हय, तिका आपोवपाक हरकत ना. ती धोडावचें, दळचें, पापड लाटचें बी काम सटसटीत करता. पूण तिणें 'हे सगळें कित्या खातीर करतात' म्हूण विचारल्यार तिका सांगप कितें?" म्हळो प्रस्न सरसोतीन उप्रासलो.

पारोतीलें तोंड तेन्ना येदेंऽऽ जालें.

"शेजारच्यांक आपोवन आमकां ह्या घरांत कितलो मान आसा तें तांकां दाखयिल्ले भशेन मात जातलें" अशें तिका दिसलें.

सरसोतीली सोसणीकाय सोंपली. "आमगेल्याच घरांत आमची ही दशा!" म्हूण दिसून तिणें भावाक दुसण दिलें. "पारोती, म्हाका दुसरें कसलें काम ना. तुका कामाक लावं नाका म्हूण ताणेंच सांगलां. तूं ओगी राव. हांवें जायत म्हूण म्हळां देखून आंगणाचें काम तितलें सोंपयतां. आमकां आनी चड शाणेपणां कित्याक जाय? पापड, वडी करपाक जाय जाल्यार तोंड उगडून ताणें स्पश्ट सांगपाचे न्हय? म्हाका दिसता, तें सगळें थारावपाक आजून जाय ते दीस आसतले. केन्नाय जालें तरी तें करचेंच आसा म्हूण ताणें आतां साकूनच तयारीक लागपाचें केलां आसतलें. कसोय जाल्यार तीन दिसांनी तो येतलोच न्हय? तेन्ना कितें तें सांगतलो. सांगलें नंतर केल्यार जालें" अशें तिणें पारोती कडेन म्हळें खरें, पूण तिगेलें मन मात रागान सळसळटालें. "बायलां जल्माक आयिल्ल्यांक मान म्हळो नासता" अशें तिका

दिसलें.

सुराक आनी सुराले बायलेक आपोवन तांच्या वांगडा दुसरे दीस सरसोती आंगणांत माती सारोवपाक लागली. काम करतना तिज्या मनांत दुसरोच विचार घोळटालो. भितर बशिल्ले पारोतीक आपोवन "कित्याक कोण जाणा, म्हाका त्या घरची परत परत याद जावपाक लागल्या. पैर सालिग्रामाच्या तेरा वेळार वचपाक जाय आशिल्लें. थंय वचनासतना तीन वर्सां जावन गेलीं. म्हज्या पोटाखातीर ते तांदूळ पावयत आसात म्हूण त्या घराचें तोंड पळय नासतना हांवें रावप बरें दिसना. एका दिसा खातीर तरी वचून येतां. रावचें दिसल्यार चार दीस रावनय येतां. अण्णा घरांतल्यान गेलो तेन्ना साकून तर म्हाका थंयचीच याद जायत आसा." म्हळें.

अशें तशें करत तीन दिसांत आंगणाचें काम सोंपयलें. सुरागेरचीं आंगण करतालीं. काळूली बायल, धूव बी येवन जमीन तुकतुकीत करून गेलीं. ऐताळाल्या आंगणाक हारश्याची तुकतुकसाण आयली. आंगणाचें काम जालें तशें आपूण मेकळी जालीं अशें सरसोतीक दिसलें.

त्या दिसा सांज जावपाक घटको भर आसतना काम सोंपयलें. आंग वांवटेल्ल्यान सरसोतीन आळसायेन आंगाक पीळ दीत, तोंडा मुखार चिमटी वाजोवन जांबय काडली. उपरांत ती न्हावपाक गेली. न्हावन येवन भायर वतना न्हेंसता तसलें बरें कापड ती न्हेसली. उपरांत पारोतीक आपोवन "पारोती, कितें, कात म्हूण म्हाका विचार नाका. अण्णान सांगिल्लें तितलें काम हांवें केलें. तो राती घरा पावतलो. तो आयलो नंतर म्हाका थंय वचपाक दिवचो ना. तागेलें पुराण आयकत बसल्यार म्हाकाय मनाक समाधान नासतलें. हांव आतां चल्ली. जाता तितले बेगीन वचून येतां. पूण ताजे पैलीं हांवें येवपाक जाय अशें ताका दिसत तर तो सांगून धाडूं." म्हणत ती आंगणांत आयलीच. पारोतीले ओंठ थरथरले. काळजांत धस्स जालें. तरी धीर करून "सरसोती, तूं तांचेर रागार जालां अशें दिसता. कित्याक राग धरता! बायलां जल्मांत आयिल्लेक खंय कितें मेळटलें? तूं त्या घरांत गेली म्हूण कसलें सूख मेळयतली? येवचे आसात आज. ते आयले तशें वच. आयले उपरांतय माटोव कित्याक म्हूण सांगनासतना रावले जाल्यार गेल्यार जालें." पारोतीन म्हळें.

सरसोतीन रागानच जाप दिली. ओंठ चाबत संतापान ती उलयताली. "पारोती, तूं ओगी राव. तुका तागेलें भंय आसप बरें आसा. पूण म्हाका कोणालीच भीड मुरवत ना. बापायन धार ओतून दिल्ले घटकेकच म्हगेलो ह्या घरांतलो अधिकार सोंपिल्लो. भाव म्हळया भरवंश्यान हांव हांगा आयिल्लें. तागेलें खावपाक म्हूण हांव हांगा येवन पडलें ना. म्हज्या पोटाचें मेळटा तें म्हाका पुरो. म्हजे घरकार ह्या संसाराक अंतरले तरी मांवान 'हांगा आमगेल्या घरांत तूं रावं नाका' म्हूण म्हाका आयज वेर केन्नाच म्हळें ना. म्हजे हक्काचे तांदूळय हांवें तांकां विचारले नात. तेय दिनात. म्हाकाच येवचें दिसलें म्हूण हांव हांगा अण्णा कडेन आयलें. भुरगीं ना, बाळ ना. फुकट थंय कित्याक पडून रावप? हो म्हगेलो अण्णा, एकाच पोटांत जल्माक आयिल्लीं आमी म्हूण हागेल्या भरवंश्यार आयल्यार हाका म्हजी उबगण आयली. घरांतल्या सुण्या भशेन आमी काम करपाक जाय. आमगेर मांटोव कित्याक घाला हें कळपाक जाय आसत तर आमी कुळवाड्यागेर जांव, शेजाऱ्यागेर जांव, वचून विचारपाक जाय न्हय!" सळसळीत उदका भशेन हीं उतरां तिगेल्या तोंडांतसून

खळखळत व्हांवत रावलीं. तिका आडावन उलोवपाची धिटाय पारोतीकय जाली ना. सरसोती रपरप हात हालयत वचपाकच लागली. उतर तोंडांतल्यान सुटनासतना पारोती तिजे फाटल्यान चलपाक लागली. पळयतल्यांक दोगी जाणी तवंश्या पोरसाक उदाक शिंपपाक वतात काय अशें दिसतालें.

शेत आयलें. तवंश्या पोरसा लागीं आशिल्ल्या शेताची शीमय आयली. ह्या तीन दिसांच्या बोवाळांत तवंश्या पोरसाक उदाक शिंपलें ना म्हळें पारोतीक तेन्ना ध्यानांत आयलें. "सरसोती, तवंश्या बांद सगळो सुकला. पयर उदाक घालपाचें आशिल्लें. कालय घालें ना." तिणें म्हळें.

सरसोती फाटल्यान पळयनासतनाच "म्हजें कुळगोत्र वेगळें, त्या पोरसा मालकालें कुळगोत्र वेगळें, उदकाचे रुणानुबंध आशिल्ले तो मेरेन तागेर रावलें. आतां चल्लें" म्हणत ती चलतच रावली. सावळे भशेन फाटल्यान पारोती वताली. न्हंये कडेन दोगांय पावलीं. सुकते वेळ जाल्ल्यान उदाक दर्या वटेन धांवतालें. पळयता म्हणसर सरसोती उदकांत देंवली आनी पलतडेक पावली. उदकांतल्यान वयर वचून फाटल्यान तोंड फिरावन "पारोती, सगळो जांचो तांचो रुणानुबंध आसता. तूं थंय कित्याक रावल्या? घरा वच." म्हूण सांगून परत मुखार वचपाकच लागली.

पारोती राविल्ली कडेनच फातर जाल्ली. भिजत आशिल्ले पोले न्हय जाताले तर ती एक शिळाम्हूर्तच कशी दिसताली. ती बाबडी कितलो वेळ फातरावरी राविल्ली कोण जाणा! न्हंयचे पलतडेन आशिल्ल्या शेतांतल्यान वचपी सरसोती नखेत्रा भशेन बारीक जायत दिसना जा मेरेन ती थंय राविल्ली. उपरांत "गेली ती!" म्हूण सुस्कारो काडत हाता कडेन आशिल्ल्या कांट्या झोपांची आंकरी तांचे कांटे दस मेरेन चिड्डीत हुंदकेली. तिजें मन नितळ मळबा भशेन आशिल्लें. ते वटेन अस्तमतेक वचपी सूर्य, हें वटेन उदेवपी कांय नखेत्रां, हांकां लागून फांकिल्ल्या लिकलिकत्या तिळसान कातरे वेळार तिगेलें मन शून्यतायेन भरिल्लें.

अस्तमतेक मळब तांबडें जावन, ताजो रंग उणो जायत, मनशालें आंग फकत सांवळे भशेन दिसपाक लागलें. घरा वासूर आयलें ना म्हूण सोदत काळू बायल पोम्मी थंय पावली. हालनासतना राविल्ल्या पारोतीक पळोवन"आमा, कसलो विचार चल्ला तुमचो? सरसोती आमाली वाट पळयतात काय कितें? तण हाडपाक गेल्यात काय तीं?" म्हूण विचारलें. पूण तें आयकलां कोणाक? पोम्मीक पळयलां कोणे? पोम्मीक अजाप जालें. "आमा न्हय तर?" म्हणत पळय जाल्यार "हय, आमाच!" त्या कातर वेळारय पोल्यार उदक लिकलिकतालें! पोम्मी भियेली. "आमा, कसलो विचार चल्ला? ह्या तिळसान कातरे वेळार दोळयांत उदाक येवपाक जालें तरी कितें? घरा कडसून इतलें पयस येवन अशा वेळार तुमी..."

पारोती भानार आयली. न्हिदेंतल्यान कच्च करून जागे जाल्ले भशेन "आं" म्हळें. एकेक गजाल तिका याद जावपाक लागली. "आतां वेळ बरोच जाल्लो दिसता, घरा वचया." म्हूण फाटीं फिरली जाल्यार मुखार कोणतरी उबी आसा. "कोण, काळू-बायल गे? कित्याक आयिल्ली तूं?" म्हळें.

"वासूर आयलें ना म्हूण ताका सोदपाक आयिल्लें. तुमी हांगा चिंतेस्त उबी राविल्ली

पळोवन उलो मारलो जाल्यार तुमची जापच ना. तुमकां म्हजी वळखय मेळ्ळी ना."

"तुवें म्हाका उलो मारिल्लो?"

"हय आमा. तुमी कसले तरी व्होड चिंतेंत आसात अशें दिसता."

ती परत कांयच उलयना तें पळोवन पोम्मी आपूण वासराक सोदत आयल्या म्हळ्ळेंय विसरली. "आमा, आतां घरा चलात; रात जाली. आज चान्नेंय उसरां येतलें. वाटेर कितेंय जिवाणें बी पांया पोंदा येत. बेगी चलात, वचया." म्हळें

"तूं वच; तुगेल्या वासराक सोद. हांव वतां म्हगेल्या घरा. रात जाली खरी."

"आतां वासूर खंय दिसतलें? येतलें रातचें वा सकाळीं. घरा वचया, चला." तिणें आग्रहान सांगतकच पाँरोती बाबडी घरा वचपाक लागली. पोम्मी तिजे फाटल्यान चलताली. पारोती उलयली ना. तिणेंय तिका उलोवपाक लायलें ना. आमा घरा आंगणांत पाविल्ली पळोवन पोम्मी घरा परतली.

पारोती घरा परतल्ली खरी, पूण फाटल्यान पोम्मी येताली तें ती नकळ. ती वचपाक गेल्लीय तिका खबर ना. भ्रमिश्टा भशेन तिणें चौकेंतलो दिवो लायलो आनी जपामाळ घेवन बसली. "नमः शिवाय" तिगेल्या तोंडांतल्यान भायर सरलें. जपावांगडा बोटांय हालतालीं. जपमाळेचे मणी एकेक बोटार चडताले देंवताले. तोंडांतलो जपाचो आवाज ल्हवू जायत गेलो. जपामाळ मात हालत उरली. उपरांत माळेनय विसव घेतलो. तिजी नदर मात दिवले जोतीचेर थिराविल्ली. आतां दोळयांतल्यान तिज्या पोल्यार दुसऱ्याच मण्यांची माळ मळटाली.

ऐताळाल्या घरा आंगणांत हयन्हयशें चान्नें पडिल्लें. पोट भरून पेजे निवळ पिल्ल्या रेडक्या भशेन "मुखार वचपाचें, काय नाका." म्हूण चांदीमाम चिंततालो. आतां तो मळबाच्या तिसऱ्या आंकणांत भोंवता. आंता एकच एक आंकण हुपलो जाल्यार तो लिपता. 'तितलें सगळें भोंवप कित्याक? हांगाच रेडक्या भशेन रंवथ करत रावल्यार लुकसान कितें जायत? कोणा भरवंश्यार हो संवसार चलता तर? आपूण नाशिल्ल्या रातीं संवसाराचो वेव्हार केन्ना थांबला? संवसारांत घोव सूर्य, हांव बायल. घोव नासत तर घर चलना. बायल नासत तर थंय कसलीच अडचण नासता.' अशें आपणाल्या मनांतच म्हणत आसतलो चंद्र. पारोतीलें दुःख पळोवन तोय तसो विचार करपाक लागलो जावंये! कोण जाणा?

रथा चाकांत घुसपल्ल्या प्राण्याभशेन चंद्राली यात्रा मुखार चलताली. कुपां ल्हारांर पेंवत तो अस्तमतेक सागरा देगे आड लिपपाक वतालो. प्रवाहांत व्हांवपी लाकडा कुडक्याभशेन जड जावन, खंय वता तेंच नकळ जावन वतेर आशिल्लो. निमाणें तो एक मिणमिणपी दिव्या भशेन दिसलो. उपरांत तेल सोंपिल्ल्या आजेल्या दिव्या भशेन दिगंतांत नाच जालो.

दिवो न्हिवलो खरो. तेल सोंपिल्ल्यान पारोती सामखार आशिल्लो दिवलेचो दिवोय पालवल्लो. उपरांत तेला धुंवर धुंवलो तरी पारोतील्या नाकांत तो जळको वास रिगलो ना. वातीचो काजुलो दिसना जातकच तिका भान आयलें. "दिवो पालवलो काय!" अशें तिका दिसलें. पूण दिव्याक तेल घालपाक जाय, तो परतो पेटोवपाक जाय, रातीचें रांदपाक जाय म्हळ्ळो कसलोच विचार तिका आयलो ना. "जावं, तो न्हिवल्यार जाता. भायर चान्नें आसा न्हय?" ती तशीच बसली. भायलो मळबांतलो दिवो भितल्ल्या दिव्या परस आदीं

पालवल्लो हें न्हिदेन झेमत आशिल्लेक कशें ध्यानांत येत? ती बेजारान आंग पसरावन दिवले कुशीकच न्हिदली. न्हिदतना दिवले दांड्याक हात आपटलो, तरी पूण दिवली कुशीन काडपांचें तिका सुचलें ना.

तेन्नाच भायर देणप्या कडेन ऐताळालो आवाज घुंवतालो. "अरे शीना, तूं फाल्यां येता न्हय? पळय, आमगेर हांव सोडलो जाल्यार दाल्लो मनीस म्हळो ना हें तूं जाणा. आसात म्हळीं ती आनी दुसरी म्हगेली भयण. त्या दोगांच्यानच कितें जातलें? म्हूण तुका सांगतां शीना, हे आठ दीस मेरेन आमगेरचो तूंच यजमान अशे समजून हें कार्य चलय." ऐताळ शेजारच्या शीनमय्या कडेन उलयताले. ते वांगडाच आयिल्ले. हांकां घराकडेन पावोवन शीना आपणाल्या घरा वतालो. ऐताळ तळयेंत देंवले आनी पांय धुवन घेतले. पयस पाविल्ल्या शीनाक तांणी परत ताकीत दिली. शीना वता आसतनाच "जायत बाबा, जायत. म्हाका आनी दुसरें कितें काम? एक लग्न दबाज्यान करून उडोवया. 'भटागेरचें लग्न तें. सुक्रुंड्या परस आनी कसलें पक्वान्न आसतले' म्हणटल्यांचें तोंडच बंद करया."

"सगळें कितें तें तुवें करचें म्हूण म्हळें न्हय? यजमानच तूं! कर्णाक पाटार बसयला. झुजाचें सूत्र तुज्या हातांत. सुक्रुंडे, वडे सगळे स्राद्धा वेळार करचे आसतात. लग्नावेळार न्हय. जाय जाल्यार रोसा पोळे, बुंदीलाडू, जाय तें करया. हात मेकळे सोडून खर्च करपाक जाय. पडमुन्नूरकारा मुखार हांव बाबत कूळ म्हूण जावपाक जायना."

चौकेर न्हिदून पडिल्ले पारोतीक ऐताळालो गडगडाट आयकून जाग आयली. "आरे, दिवो खंय? न्हिवलो काय?" म्हणत उठली. दोळयांक झेम तशीच आशिल्ली. तशीच रांदचे कुडींत वचून उज्यापेट सोदपाक लागली. रात्नी पेडार, नागोंदीर बी पळोवन मेळना जावन दारावेल्या बांजून हात घालो. ती मेळ्ळी. तांतली काडी काडून जमनीर घांसून पेटयली आनी ती दिव्याकडेन धरली. तेल सोंपिल्ल्यान आपूण पेटना म्हूण दिवो म्हणटालो. उपरांत तेल सोदपाक भोंवली. काळखातच तें ओतून, दिवलेकय अर्द न्हाणोवन, "पाडपडूं म्हजे दळदिरे न्हिदेचें!" म्हणत तिणें दिवो पेटयलो.

ही तंद्री आसतनाच घोवालो आनी शीनमय्यालो आवाज आयकल्लो. "रोसा पोळे, बुंदी लाडू, हात सोडून खर्च करप" म्हळीं उतरां आयकत, जांबयो काडत आंगणांत येवन देणप्यालागीं पावली. तेन्नाय ऐताळ आनी मय्या हांचे मदीं पैसल्यान उलोवप चलत आशिल्लें.

तळयेचे धडेवेल्यान ऐताळान "जायत, आतां वचून न्हीद. म्हाकाय भोंवन पुरो जालां." म्हळें.

घरा पोरसाच्या कोनश्याक पाविल्ल्या शीनमय्यान "जावं, ऐताळ म्हळयार खांपो! सगळें जा मेरेन कोणाक कांयच कळपाक दिलें ना. आतां पळय जाल्यार आंगणांत माटोवय झकास उबो जाला. जावं ऐताळान इतले बेगीं लग्न दवरलां. पापड, वडी जावपाच्यो नाकात?" म्हळें

"तें कितें व्होड काम शीना! सरसोतीक सांगल्यार रोखडीच करतली. रात सकाळ जा मेरेन तें सगळें जाता. सुकपाक वताचोय दुकळ ना."

परतून पैसल्यान प्रस्न आयलो "ऐताळानूं, कोणूय चली शिवळी म्हूण म्हणचे नात. जुस्त कोटकारालीच कशी दिसता. उब्या कुकमा जाग्यार आडवो कुकूम लायल्यार

कोटकाराली न्हय म्हूण कोणय म्हणपाचे नात.''

''अरे शीना, पडमुन्नूरचे मादप्प अडीग शीवळ्ळी म्हूण तुका दिसता? तांगेलो पणजो शानाडीचो. ताका शीवळ्ळीची चली हाडिल्ली. मुखार वायट ग्रहाक लागून शानाडी गांवांतल्यान ते पडमुन्नूराक आयले. थंय सगळे जाण शीवळ्ळीचेच आशिल्ल्यान तिणेंय उबो कुकूम लावपाक सुरवात केली. त्या गांवचे लोक तांकां 'कोट शिवळ्ळी' म्हूण म्हणटात. कशेंय जावं, ही सोयरीक जायत न्हय शीनय्या?''

''सोयरीक ही भांगरा भशेन. मातय कीड नाशिल्लें भांगर. कशेंय जावं, तुमकां लागून म्हजीय बरी सरबराय जाली. तुमी जांवय जाल्यार, हांव जांवयालो इश्ट. कितेंय सांगात, हांवें आजून मेरेन अशे तरेचो आदर सत्कार खंयच पळयलो ना. सगळोच राजदरबार कसो. तुमीय नुस्तें तेळून जाळ घालपाक सामकेच हुशार हां. तुमकां वय जालां. तुमगेल्या वयाक फाव तसलीच वाडिल्ली चली मेळ्ळी ती बरी जाली. जावं, तांणी आंगार दागिने बी कितले घालता म्हूण सांगलां?''

''भांगर, शिंगर तसलें हांव उलयलोंच ना. तशें उलोवप म्हाका जमनाय बी. कशेंय जावं, चली म्हळयारच एक भांगर. देवाली इत्सा आसत तर तेच तांच्या मनान बोरमाळ बी कितेंय आंगार घालतले. तशें हाताक, कानाक कितेंय घाले बगर ते धाडचे नात.'

''तशें न्हय ऐताळांनू, तुमकां इतल्या तेंपान लग्नाचें कशें सुचलें? हे बायलेक भुरगीं जावचीं नात असो अनमान जाल्लो तेन्नाच थारावपाचें...''

''आतां कितें म्हजें खाड पिकलें तर? काय तोंडांतले दांत झडल्यात? अशें पळय शीना, अजूनय लग्न जावपाक जाय अशें म्हाका दिसना. आमगेले सरसोतीन पोसको घे म्हूण फाटीक लागून चार वर्सां जालीं. पोसको घेवपाचें म्हाका बरें दिसना. कोणाल्याय घरांतलें कांट्या झाड आमगेल्या घांरातलें फुला झाड करपाक जायत? कांट्याचें तें कांट्याचेंच, फुलाचें तें फुलाचें! मरचे घटकेर तोंडांत गंगाजळ घालपी पोटचो पोर आसप वेगळो, पोसक्याकडसून स्वर्ग मेळत म्हळ्ळें तितले पुरतेंच तें! असो विचार करून ही येवजण घाली... तशी म्हजी आतां पिराय चाळीस वा बेचाळीस...''

''आमगेल्या हंदट्टीच्या हनुमैताळांक तिसरें लग्न जावपावेळार पन्नास वर्सां पिराय जावन गेल्ली. आतां तिसरे बायलेक तीन भुरगीं आसात न्हय? पयरच तांचे मुखाल्ले दांत पडल्यात. नाजाल्यार दांतान तांदळा मुडी उखलपाची ताकत तांची!''

''हनुमैताळ हे आमगेल्याच घराणातले. पूण तांकां हांव लागता? हनुमैताळ जेवतात ताजे अर्दय म्हज्यान जेवपाक जावपाचें ना.''

''ऐताळांनू, तुमगेले पारोतीन हें मानल्यार जालें.''

''शीना, आमगेल्या घरांतली रीत तूं नकळ. आमगेर घराचो मुखेली एकलोच यजमान. घोवान एक सांगप आनी बायलेन दुसरें उलोवप अशें केन्नाच घडलें ना. पडुकेरेच्या परमागेरचे भशेंन घोवाबायलेन दीस भर झगडीं करून गांवभर बोबाटो मारपाची पद्दत आमगेर नाच. तशें पळयल्यार आमगेली पारोती म्हळयार आर्विल्ल्या काळांतली सीतादेवीच. तिगेल्या नशिबांत देवान संतान योग बरयलो ना म्हळ्ळी एकच उणीव... ना जाल्यार म्हाका कितें उणे आसा तें सांग? फाल्यां तूंच पळयतलो, ती घरा आयली नंतर, पोटांतले धुवे भशेन पारोती तिका वागयतली तें.'

"चला ऐताळांनू, उलोवपांतच सकाळ जायत. आतां म्हाका याद जाली, तरवो आशिल्ल्या कुणग्यांक आज उदाक घालपाक जाय आशिल्लें. तुमच्या नादाक लागून तें विसरलों. फाल्यां सकाळीं उदाक घालेंना जाल्यार मात..."

"शीना, कुणग्यांक उदाक घालपाचें आसा म्हूण सकाळचो येवपाक कळाव करनाका. तुजेरच भरवंसो दवरून आसा. सगळीं कामां जावपाचीं आसात."

"तें तुमकां कित्याक पडलां? सूर्य उदेता म्हणसर तुमगेर पावल्यार जालें ना? कोणा कोणांक व्होंवळीक दिवपाक जाय, कुंदापूरचे सांतेतल्यान कितें कितें हाडपाक जाय, जवळी कसली काडपाक जाय हाजेर आतां राती विचार करून बरोवन काडात. सगळें दबाज्यान उडोवंया. तुमी कांयच भिवंनाकात.' अशें म्हणत तो घरांत गेलो. हेंवटेन ऐताळ तळयेंत वचून घरांत पावले आनी संध्यावंदनेक बसले.

आंगणांत रावन पारोती हें सगळें आयकताली. तांगेल्या उलोवण्या वेल्यान तिज्या सामखार एक ब्रह्मांडच उबें जाल्लें. कोणाली तरी सोयरीक जुळोवन, ते विशीं उलयतात अशें तिका आदीं दिशिल्लें. पूण घरांत सवत येता म्हल्ळी तिका निमाणें खात्री जाली.

समाधान आनी असमाधानाची एकवटिल्लीं ल्हारां आपटत आसतनाच चली कोटकारागेरची न्हय तर शिवळळी म्हळळी गजाल ध्यानांत आयली. 'कित्याक? हांकां कोटकाराली चली मेळना जाली? वैदिक कार्य करपी हांणी अशें घोड्यार बसून नस्त्यागेरची चली हाडप?' म्हळळो विचारय तिका आयलो. पूण हो विचार "सरसोतीक सांगल्यार रात फाल्यां जा मेरेन पापड-वडी रोखडीच करतली" म्हळळें घोवाचें उतर कानार पडटकच ना जालो. "देवा सायबा, सरसोतीलें आयकून उडीद वतांत घालनासतना हांव रावलें मूं!" म्हूण तिका वायटय दिसलें. तितल्यांत सरसोती गेली म्हळळेंय लक्षांत आयलें. 'घरांतली ही नवी घडणूक घोवाक सांगची कशी?' म्हळळया विचारान ती सामकीच खासावीस जाली.तिजें आंग खांब्या भशेन आंगणांत उबें आशिल्लें खरें, पूण तिजें मन मात आशाढ उमाशे दिसा जोरगत येवन दर्या उदाक खवदळटा तशें जाल्लें. ऐताळ जप सोंपोवन मुखार येवन उबे रावले तरी तिका भानच नाशिल्लें.

ऐताळय गोंदळळे. पूण उपरांत ताचो दादलेपणाचो अहंकार जागो जालो. "कोण तूं? आमी उलयिल्लें सगळें तूं आयकत रावली अशें दिसता. बायलांचें हें अशेंच आसता, दादले कितें उलयतात तें लांब कान करून आयकुंवपाचें. ही तुगेली पाडी बुद्द केन्ना ना जातली कोण जाणा!" अशें आडुत मुखार वतना सोरपाक माडयिल्ले भशेन तांच्या पांयाक थंडसाण लागली. "आवयस" अशें म्हणत दुसरे कडेन उडी मारल्यार त्या पांयाकय तीच गत! तितल्यांत तांकां हांसो आयलो. "आंगण सारोवन गुळगुळीत केलां! शिवाय कसलो तरी पालो ताजेर घांसला जायत. देखून ही जमीन इतली थंड जाल्या. जावं, इतलें सगळें केलें न्हय?" म्हूण तांकां तांतले तातूंत समाधान जालें.

चौकेर येवन पाव मेरेन तांकां खोसय जाल्ली. "सरसू, तूं म्हळयार एक देव. जमीन झक्कास जाली." अशें म्हणत तांणी एक शेंदरी पातळायली. ती सोडयतना "कामाक कितले मानाय लागले सरसू? काम करून आंग सगळें तुजें दुखपाक लागलां आसतलें. जावं, तूं बाबडें खंय न्हिदलां कोण जाणा! तुका आनी उठोवचें कित्याक? न्हीद तूं." भयण जरी दिसली ना तरी तिजेवेले मायेन तांणी म्हळें.

सरसोतीविशीं ते उलयताले खरे, पूण ती घरांत ना म्हळ्ळें ते नकळ आशिल्ले. आपणें आतां कितें तें सांगचें म्हूण पारोती घोवा म्हऱ्यांत आयली. तिज्या पांयाचो आवाज आयकून "कोण, तूं? तुका चौकेर एक दिवोय दवरपाक जायना?" म्हूण तांणी तापयलें. भायर आशिल्लो दिवो हाडपाक ती बेगिबेगीन वचपाक लागली. "आतां कित्याक कर्माक जाय तो दिवो! शेंदरी पातळावन न्हिदून जाले नंतर? जेवन सोंपल्या उपरांत हाडिल्लें लोणचेंच तें!" ऐताळान रागानच म्हळें.

पारोतीक वायट दिसलें. ती तशीच लागी आयली. दिवो पयस दवरून कुशीक रावन तिणें सुस्कारो काडलो. बायलेक वायट दिसलां तें पळोवन "कळ्ळें, हांवें उलयिल्लें तुगेल्या मनाक चड लागलें अशें दिसता. दादल्यांनी उलयतना तुवें आयकल्लें चूक न्हय, हांवें गवजी घाल्ली चूक! पुरो जालें सायबा, ह्या घरांत एक उलयल्यार कोणच ध्यानांत घेना. दोन उलयल्यार उस्तरें वता. अशे परिस्थितींत करप कितें?" तांणी म्हळें, "हांवें ताजे खातीर कांय म्हळें ना." पारोती सवकास उलयताली, "तुवें कित्या खातीर कितें म्हळें तें म्हाका नाका सायबिणे! म्हाका भोंवन पांय दुखपाक लागल्यात. दोळेय झेमतात. फाल्यां सक्काळफुडें उठपाक जाय. हजार इतल्यो राटावळ्यो आसात करपाच्यो. तुका सगळो खेळ दिसता." म्हळें

ताळतंत्र नाशिल्लीं हीं उतरां आयकून पारोतीक राग आयलो. कसलीय चूक नासतना आपणाचेर हे वोग्यावोगी रागार जातात न्हय म्हूण तिणें सणसणीत आवाजान "म्हाका कोणालोय कसलोच उपकार नाका. तुमी तुमगेले भयणीची खबर काडिल्ली. पापड, वडी म्हळ्ळें. तेंच सांगया म्हूण आयली."

"कितें म्हूण? तुमच्यान तें जावपाचें ना म्हूण सांगपाक? जावपाचे ना जाल्यार कोणा कडसून तरी करून घेवचें पडलें. इतलेंच मूं? चल, वचून न्हीद."

"तुमकां आमी कितें म्हूण दिसतात कोण जाणा! तशें म्हूणच तुमी कित्या कितेंय उलयतात. तुमगेली भयण आंगणा काम सोंपोवन आज सांज वेळार मंदर्तीक वचपाक गेली. येवपाक जाय जाल्यार सांगून धाडटलो म्हूण सांगून गेली." इतली खबर सांगून, आपूण थंय रावल्यार रामायण घडटलें म्हळ्ळया विचारान पारोती रांदचे कुडींत आयली.

ऐताळ गडबडले. घरांत कितेंय तरी घडलें आनी भयण रागार जावन गेली अशें तांकां दिसलें. ती नासतना फाल्यां खंयचेय काम जावपाचें ना म्हूण ते नकळ आशिल्ले तर? ते भियेले. तशेच उठून हातुळ्णार बसले. "अगे" म्हूण तांणी उलो मारलो. ती आयली ना. "तुमकां सगळयांक बांदून घेवन हो संवसार कसो करचो तेंच म्हाका कळना." म्हणत हातुळणा वेल्यान उठून ते पारोती न्हिदिल्ली थंय आयले. "वगीच अर्दवट सांगून म्हाका सतावंनाका. तुवें 'सु' म्हळ्यार 'सुक्रुंडो' म्हूण कळची इतली म्हगेली बुद्द चलना. तें कित्याक गेलें? जालें कितें तिका? घरांत झगडीं केलीं काय कितें? हांव एक घटका घरांत ना जाल्यार ह्या घरांत कितें जाता तें आतां कळ्ळें."

"आमी कांय झगडलीं नात. कोणेय केल्ल्यार आमचेरच पातक!" तिणें म्हळें. "तुमी संभावीत. हांवच पापी! जालें? आतां कितें जालें ते तरी सांग सायबिणे!" ऐताळान काकुळटेक येवन म्हळें.

"जालें कांय ना. तुमी मांटोव घालो. आंगण करपाक जाय म्हळें. कित्याक, कात, म्हूण

सांगलें ना. घरांत काम करपाक आपूण जाय, गाढवा भशेन घोळपाक आपूण जाय, कितें कात म्हूण कळपाक मात नाका - म्हूण रागान गेली. वचपाचो अवतार पळयल्यार ती बेगीन येत अशें दिसना. दोन तीन राती दोळयाक तिणें पाती म्हूण लायली ना. ती 'ह्या घरांत हांव एक कोयर, ह्या घरात हांव एक कोयर...' म्हणत रडत गेली''

सांगपाचें सांगून जाल्लें. नण्डेल्या मनाक जाल्लें दुःख येवजून तिकाय रडपाक आयलें. पूण थंय लक्ष दिवपाक ऐताळांक खंय फुरसद आसा? ते घटकेक आपणें कितें करचें, कशें करचें, तें तांकां येवजना जालें. भयण ना जाल्यार आपणालो संवसार गडगडटलो म्हूण ते जाणा आशिल्ले. ती घरातल्यान गेली म्हळी खबर गांवाक कळ्ळयार गांवभर लोकांक उलोवपाक वाव मेळटलो. आपणें थोड्याच वेळा पयली ''आमगेर घराचो मुखेली हो एकटो यजमान'' म्हूण शीनय्या कडेन व्हडपणान सांगिल्ली गजाल तांका याद जाली.

हो विचार तकलेंत एकसारको घुंवत आसतना पारोतीलो हुंदकेल्लो आवाजय तांगेल्या कानार पडटालो. ऐताळ गणमणले. ''सायबिणे, तुवेंय अशी वाजंत्री वाजयल्यार हांव कितें करूं? तें गेलें म्हळी चिंता थोडी म्हूण तूं आनी रडटा?'' अशें म्हणत ते भायर शेंदरेचेर आयले. थंय बसपाकय मन जालें ना. ''थूऽऽ, उजो लागूं ह्या संवसाराक.' म्हणत मागिलदारांत आयले. काळखांतच सांसपीत थंयचीं चुड्टां बुड्डुन हाडली. आंगणात बसून चुट्ट्यो बांदल्यो. उपरांत पारोती न्हिदिल्ल्या कुडांत येवन थंय आशिल्ले दिवले दिव्याक लावन चूड पेटयली. तशेंच बायलेक''हांव मंदर्तीक वचून येतां. तो वेळ मेरेन तरी तुगेली वाजंत्री बंद दवर. .सगळीं एकठांय जावन म्हजी लज काडपाचें काम मात करनाकात.'' अशें सांगून घरांतल्यान भायर सरले.

ऐताळांले लांब पांय सटासट चलताले. चूड धरिल्ले हातय सपासप हालताले.

मध्यान रातीं घोव घरांतल्यान भायर सरतेरेर पारोती आपणालें दुःख सोंसून ओगी रावली. ''हे थंय वचून कितें उलयतले कोण जाणा! ती कितें जाप दीत सांगपाक जायना! हे तापल्यार आनी ती हट्टाक पेटल्यार एकमेकांची ह्या जल्मांत परतून भेट म्हूण घडची ना. कितें जायत काय...'' म्हळी तिका चिंता लागली. बसून बेजारय आयलो. 'हांव कितें करतली? तो वयर बशिल्लो कसो घडयता तशें जातलें.'' वैराग्य आयिल्ले भशेन विचार करत दिवो पालोवन ती न्हिदली. खूब वेळ मेरेन शेंदरेर लोळत उल्ली तरी न्हीद लागली ना.

हे वटेन ऐताळ एका फाटल्यान एक शेत माडयत मुखार वताले. तीन कोस चलपाक तांकां स घटको इतलो वेळ लागलो. वाटभर सुणीं भोंकतालीं. बारकूरचे शिमेर पावले. उपरांत एका दोंगरावेले वाटेन ते रानालागीं पावले. थंयसून कशेय भशेन ते भयणील्या घरालागीं आयले. हांगेल्या पांया आवाजाक त्या घरातलीं सुणींय भोंकपाक लागलीं ''ह्या सुण्यांक कसली धाड माल्ल्या!'' तांकां स्राप दीत तांणी घरा दारार मारलें. घरांतल्यान कोणेतरी येवन कवड काडलें. ''कोण, कितें?'' म्हूण समजून घेवपाक घरांत दिवो लायलो. ऐताळ म्हूण कळटकच थंय सगळे जमले. अशें तशें उलयत ''लग्नाची खबर दिवपाक अशे रातचे वेळार येवचें पडलें'' म्हूण सांगून, भयणीक गोड गोड उतरांनी फुसलावन, रातींच परत येवपाची वाट धरली. वाटेर तिगेल्या तोंडांतल्यान एकूय उतर भायर सरलें ना. बडबडपाचें काम फकत ऐताळ करताले. पयली खंयचीच खबर सांगनाशिल्ले चुकेक, आतां

मीठ मिरसांग लावन व्हड पुराणच सांगलें. तांतलें सरसोतीक कितलें कळ्ळें आनी कितलें कळ्ळें ना कोण जाणा! पूण तिका एक समाधान जाल्लें आसपाकच जाय, भावालो गर्व आपणें जिरयलो म्हूण.

तांणी घरा मुखार पावच्या वेळार सुरागेरचो कोंबो आडुलो. सरसोतीन फाटल्यान पळयलें जाल्यार मळबार सुक्र उदेल्लो. दोगांनीय तळयेंत देंवन पांय धुले. "भोंवन पुरो जालें, एक घटको भर न्हीद काडल्यार जाताली" ऐताळान म्हळें.

"तूं वचून न्हीद."

"तूं कितें करता ह्या काळखांत?" ऐताळान म्हळें.

"काळोख खंयचो? कोंब्यान साद घाल्लो आयकलो ना? सुक्रय उदेलो. सकाळीं कितें कितें करपाक जाय तें पळयता.' सरसोतीन म्हळें.

पारोती एकदम जागी जाली. सरसोतीलो आवाज आयकून तिजो उत्साह शतपटीन वाडलो. "देवान हात सोडलो ना म्हणचे!" तिणें म्हळें. ती बेगिबेगीन हातुळणावेल्यान उठली आनी सरसोतीक मेळपाक भायर पांय दवरलो. पूण फाटले रातीची तिका याद जाली. "घोवान दुसऱ्या कडेन उलयिल्लें लांब कान करून आयकलें म्हळ्ळो आरोप नाका" असो विचार येवन ती परतून हातुळणार गेली. सरसोतीन थंय येवन "पारोती, न्हीद लागल्या?" अशें सकाळीं म्हणटकच परतून ती जागी जाल्ली.

○

6

हे पंद्रशींत ऐताळांचें घर म्हळयार धर्मशाळा, काय साते बाजार, काय आनी कितें म्हणचें तें कळनाशिल्लें. येता वतल्यांचो बोवाळ, जेवन ढेकर दितल्यांचो आवाज घुंवन कान केप्पे जाताले. हें शुभ कार्य सोंप मेरेन तरी ह्या घराचो होंवळो शीनय्या. मध्यान राती कडेन ऐताळाक दिल्ल्या उत्तरा प्रमाण सक्काळ फुडें कुणग्यांक उदाक घालून तो ऐताळागेर हाजीर जाल्लो. शीनालो आवाज आयकल्यार 'गर्भ पडपाक जाय' म्हणटात न्हय, तसलो तरेचो. तागेली घरकान्नय घरांत यजमानपण करपाक आयिल्ली. तिणें ल्हवूच उलयलें तरी तिनशेक वांवार आयकतालें. तिका दर्या गाजा परस व्हड आवाजान उलोवपाची संवय. अशा वेळार लोकांनी भरिल्ले ऐताळालें घर तांच्या आवाजान घुंवलें जाल्यार अजाप न्हय. घरांत फकत धा-वीस जाण जरी आशिल्ले तरी भायल्यान आवाज आयकतल्यांक घरांत शेंकड्यांनी लोक आसात अशें दिसले बगर रावनाशिल्लें.

ऐताळ 'न्हवरो' जालो म्हूण कितें? चार दिसां उपरांत लग्न आसा. लागशिल्ल्या नात्यांतल्यागेर व्होंवळीक सांगपाक कोणें वचप? पैशिल्ल्यागेर शीनाक जावं आनी कोणाकय धाडपाक जाता. पूण लागींचें नातें आशिल्ल्यांगेर आनी भटपणाक वचपी घरांत भीड कुशीक दवरून न्हवऱ्यानच वचपाक जाय. घरांत दुसरो दादलो मनीस नाशिल्ल्यान शीनमय्याकडेन सगळो कारभार दिल्लो आसलो तरी असलीं कामां तांणीच करपाक जाय न्हय? पूण एक मात खरें, माटवाचो गडगडाट पळोवन लोकांक दुबाव जरी मारिल्लो तरी रातच्या व्हडान जाल्ल्या उलोवण्यांक लागून "ऐताळांक दुसरे पणाचें लग्न खंय" म्हळी खबर वाऱ्या वांगडा उदेंतेसाकून अस्तमते मेरेन पाविल्ली. अक्षतेचें आयदन घेवन ऐताळांनी इश्टांगेर रावल्यार पुरो, तेच "जायत, येतात आमी" म्हूण सांगून मेकळे जाताले. 'लग्ना घटका खंयची?' म्हूण तांणी प्रस्न विचारल्यार मात हांचेर जाप दिवपाचो प्रसंग येतालो. अशे तरेन ऐताळ आपणालें कर्तव्य करपाक भायर सरले. वता थंय तांकां येवकार मेळ्ळो.थंय चड उलोवपाची तशी गरज नासताली. तरी कोणाकय दुबाव नाका म्हूण आपूण जावन "म्हाका हें लग्न जावपाचें मनांत नाशिल्लें. 'अपुत्रस्यगतिर्नास्ति' म्हणटात न्हय? म्हूण भयण फाटीक लागली आनी पारोतीन हट्टच धरलो..." अशें मीठ मिरसांग लावन ह्या लग्नाचें ते कारण सांगताले. पडमुन्नूर गांव जरी पयशिल्लो आसलो, तरी हे सोयरे कशे लागींचे आसात म्हळें ते तांकां पटयताले. "ते तशे कोटचेच. पूण शिवळ्ळी वांगडा रावले तितलेच. तांगेरची नेमनिश्ठा बी तोखणाय करपाची! देवादयेन घरांत भरपूर आसा. खोबरेल, उंडेल, आंबे, पणस हांचो हिशोब ना. पडमुन्नूर तसो वयलो गांव जरी आसलो तरी ह्या वाठारांतल्या गांवांत आसा ती सगळी सोय थंय आसा". अशें हे सोयरिके विशीं ते सांगून मेकळे जाताले.

होंवळीक सांगपाक वताले थंय जाणटेलेय आसताले. ऐताळाल्या फाटल्या लग्नाची तांकां याद आशिल्ली. "अरे रामा, तुगेल्या बापायन तुगेलें लग्न भर पावसाळ्यांत दवरलें.

पावसाचो झडमोडो येवन आमी कोणेंय लग्नाक पावनयो अशें तेन्ना केलें. आतां तुवें वडपांडेश्वर, पडमुन्नूर म्हणत पैसल्ली सोयरीक पळोवन आमचे सारकेल्या पांयांनी थकिल्ल्या म्हाताऱ्यांनी लग्नाक येवनयो अशें केलें.'' अशें ते म्हणटाले. पूण ऐताळ जाप दिवपाक तशे फाटी उरलें नात. ''तशें कांय ना. तुमकां तें पयस तर? हांगा तारीर वचून व्हड्यार बसल्यार एक बरो वारो आयलो म्हणसर व्हडे तोन्सेक पावता. थंयच्यान चार पावलांचेर तांगेलें घर. पैसबीस म्हूण निमित्त सांगून येनासतना रावं नाकात हां.'' अशें ते आग्रहान म्हणटाले.

त्या दिसा सकाळीं होंवळीकेक भायर सरिल्ले सांज मेरेन सगळीं घरां सोंपोवन, भूप्रदक्षणा घाल्ले भशेन दीस बुडपा वेळार ऐताळ घरा पावले. तांचे फाटोफाट सकाळींच चार व्हड साका पोतयो मात्यार घेवन कुंदापुरांतली शेनवारची सांत करपाक भायर सरिल्लो शीनय्या सांजे कुंदापूरसाकून कणगां, आमसाण, मिरसांग आनी कितें कितें जाय अशें दिसता तें सगळें एके बैलगाडेर घालून मध्यानराती हंगारकट्टेक पावलो. थंयसून व्हड्यावेल्यान ऐताळाल्या घरा लागीं येवन 'ए काळू... ए सूरा...'' म्हूण घरांत न्हिदिल्ल्यांक उठोवन व्हड्यांतलें सामान ताणें माटवांत पावयलें.तो मेरेन झिळमिळलें. ''न्हिदचें नाका आतां. एक घटकोभर न्हिदून कितें जावपाचें आसा? म्हळो विचार करून ताणें ऐताळाक उठोवन खबऱ्यांक सुरवात केली. सातेंतली गजाल सांगली. म्हारग सामानय आपणें अर्दापरस उण्या मोलाक कशे तरेन घेतलें म्हळो पुरुशार्थय सांगून जालो. तीन तीन पटीं पांय घुसपून वाटेर पडिल्ल्या दळदिऱ्या गाडये बैलाची खबरय सांगली . हंगारकट्टे बंदरार एकय व्हडें नाशिल्ल्यान उलो मारून मारून पैसल्यान वचपी व्हडेकाराक आपोवन आपणालो गळो कसो खरखरलो तेंय ताणें सांगलें. हें सगळें सांगून जातकच मुखाल्ल्या कामाची चवकशी केली. ''खंय, खंय होंवळीक सांगून जाली? हांवें खंय खंय वचपाक जाय? मण्णूर, पडुकेरे, कोडी, कन्यान ह्या दर्या देगेवेल्या गांवांचें हांव पळोवन घेतां. सक्काळीं भायर सरल्यार दनपारां जेवणाक घरा...'' म्हळें उतरय ताणें दिलें.

न्हीद खळची पडिल्ल्यानय पुरो जायनासतना शिनय्यान ''सरसोती माये, पापड, वडी बी करची याद आसा मूं? पळय, एक हजार तरी पापड जाय. तसो न्हवरेकारांक चड खर्च नासता खरो, पूण देवकारें, घरभरणी बी म्हणटना सयशीं तरी पानां मांडची नात? लग्न पैसल्या गांवांत म्हूण थंयमेरेन कोणी जरी पावले नात, तरी हांगाचे भुसाक येनासतना कोण रावत? 'दोन व्हड जेवणां, तेंय ऐताळागेर, म्हूण सोयरे धायरे मुयो आयिल्ले भशेन आयले बगर रावतले?'' म्हळें.

सरसोतीन येवन ''फोव जाले. उडदापीठ तयार आसा. पापडाचें पीठ धाडावपाचें आनी वडी घालपाचें काम आज सांजमेरेन सोंपता. तें काम तशें व्हड न्हय'' म्हळें. शीनान ''तुमगेली भयण म्हळयार...'' म्हूण ऐताळा कडेन तिजी तुस्त करपाक तोंड उगड मेरेन तिणेंच ''शीनमय्यानूं, अण्णाकडेन विचारात, 'दागिन्याचो कितें विचार केला काय' म्हूण. आमी विचारल्यार बायलांक अधीक प्रसंग करपाक जाय म्हणटलो. तांणी कितलेय दागिने घाले तरी आमी एक जोड कांकणां, मंगळसूत्र, एक बोरमाळ इतलें तरी घालचें नाका? हाणें तीन दिसांत लग्न करचें केलें म्हूण हें सगळें करनासतना रावपाक जाता?'' म्हळें.

''सरसोती माये, हें खरें.' अशें म्हणत तो ऐताळाकडेन वचून ''ऐताळांनू, हात हालयत

रिकाम्या हातान वचप आमगेल्या मानाक सोबचें ना. सरसोती मायन सांगल्यात तितले दागिने तरी व्हरपाक जाय. कांकणां जोड,मंगळसूत्र, बोरमाळ हें इतलें तरी जाय... ती म्हणटा ते खरें आसा.'' म्हळें.

''अरे शीना, सरसोती समजता तितलो हांव बोद्दो न्हय. काल होंवळीकेक गेल्ल्या वेळारच आमगेल्या गुंडू शेटीकडेन भांगर दिवन सगळे दागिने परां दनपार मेरेन दिवपाक जाय म्हूण शिटकावणी दिवन आयलों.''

''शीनमय्यानूं, आमगेल्या ह्या अण्णाक, आमकां बायलांक एक कितेंय खबर सांगची म्हूणय कळना'' सरसोतीन म्हळें.

''सरसू, तूं तशें कांय समजून घेवंनाका. सांगपाक, करपाक फुरसद आसपाक नाका? मंदर्तीसाकून तुका घरा पावोवन हांव तसोच न्हावन होंवळीकेक गेल्लों. असल्यो खबरो करपाक वेळ तरी खंय आसा, सांग पळोवया? खंयचें म्हत्वाचे, खंयचें बाबत हें समजून घेवपाची तुमच्यांत तांक ना जाल्यार हांवें कितें करचें?''

''जावं, तें जालें न्हय, सोड. हाजें कितें केलें?''

''कसलें तें?''

''तुगेले पारोतीन लग्नाक येवपाक जाय काय नाका?''

''हें कितें उलयता तूं! ती म्हाका नाका जावन दुसरें लग्न करचें केलें काय कितें हांवें? देवान एक पूत दिल्यार तिका एक पिंड आनी म्हाकाय एक पिंड दिवपाक कोणूय आसचो म्हळ्ळे आशेन केल्यार...''

''हांवें तें म्हळें ना. तिणे लग्ना माटवांत वतना आंगा-खांद्यार कितेंय घालपाक जाय काय नाका? तुवें अशें तिका कितले भांगर केलां? घरांत येतलेक जें करतलो ताज्या अर्दान तरी ह्या लग्ना निमतान हिका करचें नाका? हिगेल्या आंगार भांगर आसा काय ना हें लग्नाक आयिल्ल्या बायलांचे नदरेक पडले बगर रावत?''

''सरसू, तिका भांगर करपाक जायना वा तें करचेंच न्हय अशें हांवें सपनांतय येवजिलें ना. पूण तें करपाक आतां वेळ खंय आसा? लग्नाक दोनच दीस आसात. अशा वेळार कितें करचें आनी कितें सोडचें सांग?''

''तें खरें... तें खरें... व्हंकले आंगार घालपाचे गरजेचे दागिने जालें म्हण्टकर उरिल्ले दागिने मागीर सावकासायेन करपाक जातात.'' शीनय्यान मर्दीच तोंड घालें.

''मुखार ते केलेय कितें, ना केलेंय कितें, दोनूय एकच. तिणें केन्नाय भांगर जाय म्हूण म्हळ्ळें ना. आतांय म्हळें ना. पूण आमी तरी तें समजून करपाक नाका?'' सरसोतीन म्हळें.

''अगे सायबीणे, लग्ना वेळार घालपा पुरते होळ्ळागेरसून पंछेरभर तरी दागिने हांवें हाडल्यार जालें कांय ना?''

''जातलें कशें? तें भांगर पोरणें काय नवें हें लोकांच्या दोळयांक कळ्ळे बगर रावत?'' सरसोतीन प्रस्न केलो.

सरसोतील्या तोंडाक तोंड दिवप तांकां जमलें ना. सोयऱ्यांक व्हडपण दाखोवपा खातीर ते खर्च करपाक तयार आसात. पूण न्हय नस्त्या चड खर्चाक ते तयार नात. पारोतीन भांगर घालें कितें, ना घालें कितें, दोनय एकच अशें तांकां मनांत दिसतालें. पूण तशें तोंडान सांगपाक मात धैर्य जायनाशिल्लें. तशें म्हळें आनी सरसोती तोंड घेवन गेली जायत

तर आपणाली धडगत ना हें ते जाणा आशिल्ले. अशा वेळार कितें करप हें कळना जाल्ल्यान ते शीनमय्यालें तोंड पळयत बसले. शीना सामको बेरकी! वारें पळोवन सूप धरपाक तो बंट. ''ऐताळानूं, तुमी अशें करात, आज होळ्ळागेर वचून जाय ते दागिने हाडात. ते त्या गुंडूशेटील्या चल्या कडेन दिवन नवे दिसपा सारखे ओप घालपाक सांगात.'' असो ताणें सल्लो दिलो.

''तशें चार दिसां खातीर हाडिल्लें भांगर मागीर जालें तरी परत दिवपाकच जाय न्हय? तें कितें आमगेलें जाता?'' सरसोतीन म्हळें.

ताका शीनानच जाप दिली. ''लग्न जाता म्हणसर पावस येता. तेन्ना गुंडू शेटीक काम धंदो कांय नासता. तेन्ना चार तोळे भांगर ताजे कडेन दिल्यार बडयत बसतलो. हांवें येदोळ सांगलें तें फकत लग्ना वेळार दोन दिसां कितें करचें म्हळळें.''

ह्या कोल्या बुद्दीच्या मनशा कडेन उलोवपांत अर्थ ना अशें दिसून सरसोती ओगी रावली आनी भितर कामाक गेली.

''ऐताळांनू सकाळ जाली आतां. आंब्या पानान तोंड धुवन बेगीन इल्लें मुगां उदाक पिल्यार, उपरांत जाय तें काम करपाक जातलें'' शीनय्यान सुचयलें.

''शीना, कितेंय जावं, हे लग्नाचे चार दीस तूं म्हाका आधार दी. मुगां उदाक जाय जाल्यार तें घे, धंयांतले फोव जाय जाल्यार ते खा... तुका जाय तें...' ऐताळान हांसत म्हळें. सरसोतीलें तोंड बंद करून आपणावेलें एक संकट शीनान ना केल्लें. ताजी बुदवंतकाय ऐताळांक होलमली. होवळयाचें काम ताजेर सोंपयिल्लें बरें जालें अशें तांकां दिसलें.

धंयांतले फोव म्हणटकच शीनाक ते खावचे दिसले. ''धंयांतले फोवच खाल्यार बरे. काल हांव जेवलोंय ना. दीसभर वतांत भोंवन उदाक पिवनच पोट भरलें. आतां थोडे धंयांतले फोव खावन पोटाक थंड केल्लें बरें. मागीर वयर वत आयलें तशे थोडे शिजयिल्ले मूग वांटून इल्लें गोड घालून दियात. धगा दिसांनी हें मुगा उदाक म्हळयार अमृता भशेन पळयात...'' अशें म्हणत तो प्रातःर्विधिक उठलो. ऐताळ तोंड धुवपाक गेले.

तीन दीस सतत काम केल्ल्यान चौथ्या दीसा लग्नाची सगळी तयारी जाल्ली. त्या दिसा सांजे लग्न आशिल्लें. दिबण भायर सरतना पांयाचे वाळे धरून कानाचे भिकबाळे मेरेन सगळे दागिने घालून, माथ्याक रुमाल बांदून, हातात पोंया आयणो घेवन न्हवरो उबो राविल्लो. रांदचे कुडींतले खिडकी खांचीतल्यान पारोती नदर लावन तांकांच पळयताली. तिचे नदरेंतले भाव तेन्ना अवर्णनीय आशिल्ले.

तिका आपणाल्या लग्ना दिसांची याद जाली. पंदरा वीस वर्सां मागशीं, असोच न्हेसून एक तरणाटो आपणा वांगडा लग्न जावपाक मेण्यांत बसून उटंगार पावसांत आयिल्लो. त्या पावसान रावपाकय सुवात ना जावन धडपडत आसतनाच, घोवालें तोंड आपणें तिरशे नदरेन पळयिल्लें तिका येवजलें. आपूण घोवागेर आयिल्लो प्रसंगय तिज्या दोळयां मुखार आयलो. आपूण आवय जावपाक धडपडटाली ताजी यादय ल्हारां भशेन तिगेल्या मनांत व्हांवली. निमाणें आपूण वांजच उल्ली न्हय म्हळळो विचार येवन तिका वायटय दिसलें. आतां कसलें समाधान? घरांत सवत आयल्यार कसलें सुख आसतलें? घरांत कटकट सुरु जावपाची ना मूं? आपणें शांतपणान कितलेंय सहन केलें तरी ती आपणाक मानमर्यादेन

वागयत म्हळ्ळो भरवंसो खंय आसा? आपणावेली घोवाली माया तिजे वटेन व्हांवन, मायेचो सगळो शिंवर तिजेरच जावचो ना मूं?

हें सगळें सोंसून आपणाक समाधान कसलें? पिंडाचेर तिळा उदाक सोडपाक एक पूत जातलो म्हळ्ळें मूं? आपणाल्या घोवाचें बरें आसा. तसो जल्मल्लो चलो तांगेल्याच रगताचो आसतलो. पूण आपणालो सवतीलो चलो आपणाकडेन कशे तरेन वागत? ह्या विचारांचीं ल्हारां उंदका धार जावन तिज्या दोळयांर पातळ्ळीं. न्हवरो जावन बशिल्ल्या आपणाल्या घोवाकडेन परत पळोवपाची धिटाय तिका जालीना. जायते जाण सोयरे आनी इश्ट पाविल्ल्यान घरांत सगळो बोवाळ चलतालो. तांकां कितें जाय, कितें नाका तें पळोवपाक जाय न्हय? अशा वेळार आपणें कितें करपाक जाय हाजो ती विचार करपाक लागली.

पूण सरसोती खंय दिसना ती? तिका आपणाल्या भावाल्या दुसऱ्या लग्नाचें दिबण पळयन अशें दिसना काय? दिसता. पूण तिका ताजे परस चड म्हत्त्वाचें काम आशिल्लें. पापड भाजतना करपून पाड जावचे न्हय हाजी काळजी घेवपाची आशिल्ली. घरभरणी जायमेरेन पुरो जावपाक जाय म्हूण केल्ले पापड शिनय्याल्या व्हडपणाच्या उतराक लागून रांदप्यांनी एकाच दिसांत खलास करचे न्हय म्हूण तिका लक्ष दिवपाचें आशिल्लें.

पारोतीलो दुकांभार देंवलो तसो तिका आपूण घरांतली जावन फाटींच उरली जाल्यार "ह्या लग्नाक पारोतीची मान्यताय नाशिल्ली" म्हळी आवाय गांवभर पसरत वतली अशें दिसलें. तशें जावचें न्हय म्हूण उफेवन येवपी मन थातारून ती माटवांत रांदतात थंय गेली. त्या धुकटांत खांकत, पापड भाजतल्यांक हातभार लावपी सरसोती वांगडा तीय काम करपाक लागली. पूण धुकटाक लागून दोळे व्हांवपाक लागले तशी ती थंयसून उठली. तोंडार उपाट खोस परगटायत पांच-स फावटीं माटवांत हांगा थंय भोंवली. थंय आशिल्ल्यां कडेन उलयली. "हय पारोती, तुगेल्या घोवाक भांगर बिंगर घालून सिंगारल्यार ताची पिराय विसां परस चड आसा अशें दिसना." म्हूण एके सवाशीण बायलेन म्हळें तशी ती आपूणय हांसली.

देवकारें जावन जेवणा पानां पडलीं. दोनशीं पानां मांडटकच माटोव भरलो. तरिकूय लोक येतच आशिल्ले. ऐताळान शीनय्याक आपोवन "केल्लें सगळयांक पुरो जातलें मूं?" म्हूण हळूच विचारलें. शीना उतरांनी भुलोवपाक खांपो! ताणें हांगा-थंय पावटी मारत बेगिबेगीन वाडपाची तयारी केली. पंगत अर्द जेवता म्हणसर दुसरे पंगती खातीर वाट पळोवपी शंभरेक जाण राविल्ले. पंगत जेवन उठ मेरेन दोनशेंक लोक जातीत. माटवांत रांदचे कडेन वचून "वाडटल्यांक मातय अदमास मेळ्ळो ना कसो? बेगि बेगीन हूनहूनच वाडल्यार केल्लें रांदप आशिल्ल्या दोनशीं लोकांकय पावतलें आशिल्लें. " शीनान म्हळें. रांदच्या माटवांत वचून थंय शिल्लक आशिल्ले नुपुरो जावपी रांदप पळोवन ऐताळ गोंदळ्ळे. सारांत उदक, आमसाण, मीठ, मिरसांग घालून सरसोतीनच तो वाडयलो. धुंवराचो लोट गांवभर पसरायत शिता रांदन पेटली. पयले पंगतींत बशिल्ले लोक जेवन, खावन खंय पावले कोण जाणा, त्या उपरांत दुसरी पंगत दोन घटका उसरां बसली. "तिसरी पंगत नासतली. सगळे आतांच बसात" शीनान आज्ञा सोडली. जालें,सगळे जेवपाक बसले. शीनाय बसलो. शीनान सांगून ददरिल्ले भशेन वाडपी हूनहून शीत आनी सार झरझरीत वाडत मुखार गेले. "सार जाय' म्हूण जेवतल्यान म्हण मेरेन रोस आयलो. 'रोस हाड"

म्हूण म्हण मेरेन ताकाकडी आयली. ताका कडेचें जेवण चलता म्हणसर गोड घालून पातळशेंच केल्ले चण्यादाळीचें मणगणेंय आयलें.

अशे तरेन रांदिल्ल्यांतच सगळयांक वाडून मेकळें केलें. "हांवें सांगिल्लें कशें? येदोळची पंगत वाडटनाय अशेंच वाडिल्लें जाल्यार हांकां इतले तिश्टत रावचें पडटाले? घरभरणी दिसा वाडटना कशें वाडप तें ध्यानांत दवरात..." शीनान आपणाली फाट आपणेंच थापटून घेतली. ह्या उतराक कोणें कांय म्हळें ना. पूण सरोसतीन मात ल्हवूच "शीनय्यानूं, आयिल्ल्यांचे जिबेक वाडप आनी पोटाक वेंट बांदप अशे तरेन वाडपाचें आसल्यार लोकांक जेवपाक तरी कित्याक आपोवपाक जाय आशिल्लें?" म्हूण विचारलें. शीनच तो! ताजे कडेन जाप तयार आशिल्ली. "सरसोती माये, तशें पोट भरून ढेकर यो मेरेन जेवपाक जाय जाल्यार लोकांनी माघ-नमीच्या जेवणाक वा राजांगणाच्या जेवणाक उडुपाकच वचपाक जाय."हांसत ताणें म्हळें.

आतां शीनाक दिबण व्हरपाची ताकतीक लागली. पूण वचप कशें म्हळळो प्रस्न आशिल्लो. माटवांत आसात ते उण्यांत उणें दोनशेंक जाण तरी आसतले.त्या सगळयांनी दोन कोस अंतर वचपाक जाय. दर्यावेळेवेल्यान चलत मानस पार करून, तोन्सेसाकून सगळयांनी मुखार वचपाचें अशें सगळयांक दिशिल्लें. पूण शीनाक तें पटलें ना. घरातल्यांनी, न्हवरेकारांनीं आनी आपूण होंवळो इतल्यांनी, वाजंत्री आनी सवाशिणेवांगडा सामान घेवन व्हड्यान तोन्सेक वचप अशी तागेली इत्सा आशिल्ली. जाय जाल्यार बंदरावेले वखारी मुखाल्ल्यान दीबण व्हरचें म्हूणय ताका दिसतालें. पूण ताणे चारच व्हडीं सांगून दवरिल्लीं. तातूंत लोणचें भरिल्ले भशेन चेपले तरी तीन व्हड्यांत साठ जाण कशेय धरतले. एक व्हडें सवाशीण, वाजोवपी आनी फोगेर हांकां जाय. लग्ना माटवा मेरेन आपणाक व्हरपाची वेवस्था केल्यार जाताली म्हूण दोनशेंक लोक जे थंय उबे आशिल्ले तांचें कशें जावप?

शीनान माटवांतल्यान भायर येवन अस्तमते दिकेन पळयलें. "ऐताळांनूं, चमकत वतल्यांनी आतांच भायर सरपाक जाय. ना जाल्यार काळोख जातलो. मानशे तोंडार न्हंये पलतडेन वचपाक चड वेळ लागतलो. हांवें सगळे तरेचो यत्न केल्लो आसतनाय चारांपरस चड व्हड्यो मेळूंक नात. ह्या हंगारकट्टेच्या सावकारांनी, कोक्करणे साकून तांदूळ हाडपाक सगळीं व्हडीं करारार व्हेल्यात. आमगेल्या ऐताळांक लग्नावेळार अशे तरेन तांणी त्रासांत उडयलें." म्हळें

"आतां हांव सांगता तशें करात. व्हड सावकार आनी घरांतल्यांनी व्हड्यांतल्यान वचपाचें. हेर सगळे बेंग्रे वटेन चलपाक लागात." म्हूण ताणें व्हडान सांगलें. तागेलो आवाज माटवांतल्यांकच कित्याक, सगळो गांवभर आयकलो. आतां रावन उपयोग ना म्हूण कांय जाण बेंग्रेची वाट चलपाक लागले. तितले पैस कोणें चलत वचप म्हूण कांय जाण अर्द मनान घरा परतले. कांय जाणांक शीनान "तुमी व्हड्यातल्यान येयात" म्हूण ल्हवूच कानांत सांगलें. आनी कांय जाण 'व्हड्यांत जागो मेळळयार वचप, नाजाल्यार घरा वचप' म्हूण रावले.

दीस बुडपाक दोन घटका उरिल्ल्यो. दिबण वाजप आनी फोगोट्यांच्या धुमधडाक्यांत भायर सल्लें. सगळे न्हंयचे तारीर पावले. सगळेच मुखार धांवताले! धांवत वचून आपणें

व्हड्यांत जागो मेळयल्यार आपणालो हक घट जातलो अशें जाय ते जाण समजले. ताजो परिणाम म्हळयार न्हवऱ्याकच बसपाक तातूंत जागो मेळ्ळो ना. शीनमय्या गडबडलो. व्हड्यांत बशिल्ल्या कोणाकच उठोवपाक जायनाशिल्लें. सगळेच ताका जाय आशिल्लेच आशिल्ले. आतां किर्ते करचे म्हूण तो विचारांत पडलो. उपाय ना जावन ऐताळान "शीना, व्हडीं सोडपाक सांग. आमी साव५,,सायेन जमनीवेल्यान बेंग्रेची वाट चलपाक लागया." म्हणचें पडले. व्हड्यांत बशिल्ल्यांचीं तोंडां पळोवपा सारकीं जालीं. सगळे जाण व्हड्यांतल्यान देंवले. आतां परतून शीनालो आवाज व्हड जालो. "लग्नाचीं वजीं, छत्र-चामर , वांजंत्रां, दागिन्या पेट बी घेवन एका व्हड्यांत बसात. सावकार लोक दुसऱ्यांत बसात. आनेकांत बायलां बसात. उरिल्ल्या एकांत एकमेकांक सांबाळून घेवन हेर सगळे बसात.' म्हळें.

अशे तरेन सगळे जाण बसले. कांय जाणांक अशें तरेन व्हड्यांत बसल्यार "उदकांतच लग्न जायत" म्हळ्ळी भिरांत दिसली. तशें एकट्यान म्हळ्ळें शीनाल्या कानारय पावलें. "आमगेल्या गांवांतल्यांच्या तोंडात केन्नाय अमंगळ उतर येता शिवाय मंगळकारक विचार येवचे ना." म्हूण ताणें तशें म्हळ्ळयाक गवजी घाली. तरी थोडे जाण भिवन आपूण जावन व्हड्यांतल्यान सकल देंवले. तांणी चलत वचपाची तयारी दाखयली. हो वेळ मेरेन सूर्य तेवटेन बुडपाक लागलो. हेवटेन दिबण भायर सल्लें. वाजप वाजपाक लागलें. व्हडीं सुटलीं. फोगोटेकारांनी आपणालें कामय सुरु केलें. ऐताळालें दिबण वता तें पळोवपाक वाटेर जाय ते जाण उबे आशिल्ले. त्या झिळमिळट्या उजवाडांत पळयतल्यांच्या दोळयांक न्हवरो जुवान भुरगो कसो दिसतालो.

हंगारकट्टे बंदरा मुखार व्हडीं पावपाक एक घटकाय लागली ना. त्या बंदरा कडेन पावतना शीनालो आवाज परत व्हड जालो. "ऐताळांनू, तेल उरवळी भर चड खर्च जालें तरी हरकत ना दिवट्यो पेटोवन सोडया. बंदरावेल्या सावकारांकय दीबण दाखोवया," म्हूण व्हडपणान ताणें सांगलें. तांगेल्या ह्या उतरां वांगडा मारांदाचो आवाजय घुंवलो. एक दोन सुरसुरबाणय सुटले. तेन्नाच विसव घेत आशिल्ल्या वाजंत्र्यांक उलो मारून " अशें किर्ते? बंदरा सामखारच तुमचो आवाज बंद जावपाक जाय आशिल्लो?" म्हूण शीनय्यान गवजी घाली आनी वाजप वाजोवपाक लायलें. पूण तशें पळयत तर व्हड्यो काय बंदराक सामक्यो लागीं नाशिल्ल्यो. तरी आपूण होंवळो हें सगळयांक कळ्ळें म्हळ्ळें समाधान जावन शीना मात खुशालभरीत जालो.

तोन्से लागीं पावलें तशें "व्हडे कणकणी चार चार दिवट्यो पेटयात" म्हूण सांगणें आयलें. दिवट्यो पेटल्यो. व्हडीं वतना त्यो दिवट्यो उदकांत पडबिंबीत जावन सगळो वाठार सोबीत दिसतालो. शिवाय ते खर गिमांतले खारट उदकाचे दीस आशिल्ले. ताका लागून उदाक हाल्ल्यार चकतकतालें. अशे तरेन तांची वाट उजवाडाचो पाट जावन व्हांवताली. दादले पान फोपळ खायत आशिल्ले. बायलां व्हाड्डीके पदांत गुंग जाल्लीं. छत्र, चामर बी धरतल्यांक आतां कांयच काम नाशिल्लें. दिवट्यो घेवन वचप्यांची व्हड्या सकल नदर थिराविल्ली. "हें बामण कोणय नासताले जाल्यार नुस्तें धरपाक हो वेळ काय बरो आशिल्लो! ओ थंय पळग्गत कशे रंगेन शेतकां वतात ते." म्हूण म्हणटना तांचे तकलेंत नुस्तें मारपाचो विचार घोळपाक लागलो!

सगळयांची उमेद वाडत आसतना तोन्सेच्या बंदराक व्हडीं लागलीं. "ऐताळानूं, असलो प्रवास आनीकय कांय वेळ मेरेन करचो पडलो तरी हरकत नाशिल्ली." शीनान म्हळें. सगळे जाण झपाझप सकल देंवलें. चलत आयिल्ले त्या आदीं थंय पाविल्ले. पूण व्हड्यान येतात तांकां सोडून लग्ना माटवांत वचप बरें न्हय अशें दिसून नांगर मारून बीं घाल्ल्या एका शेताच्या बांदार रांगेन बसून वाट पळयताले. सगळे थंय एक जाले. हाका लागून दिवट्यो चारांच्यो शंभर जाल्यो. लग्ना दिबण एक झुजादळ कशें दिसपाक लागलें. तोरण, छत्र, चामर, पताको बी मुखार, फाटल्यान लोक अशें दिबण वचपाक लागलें. न्हवऱ्याक पालखेंत बसयिल्लो. पालखे दांड्याकडेन मात मुखार शीनमय्या आशिल्लो. ताजे परस मुखार दागिने आनी पैशे आशिल्ली पेट घेतिल्ले वताले. त्या दिसा शीनाल्या कंबराक बोटा इतली जाड रुप्या सरपळी आशिल्ली! वांगडा उश्णी हाडिल्ली एक भांगरा सरपळीय गळयांत सोबताली.

हो सगलो गडगड पळोवन, दळदिऱ्या पावसाक लागून पैलेपणाच्या लग्नाक चुकिल्लो हो राजदरबार आनी मिरवणुकीचो योग आतां आपणाक मेळळो म्हूण ऐताळांक खोस जाली.

दिबण पडुमुन्नूराक पावन व्हंकलकाराल्या माटवा मुखार आशिल्ल्या शेतांत पाव मेरेन एक पार रात जाल्ली . दोनूय पंगडांत झूज पेटलां काय अशे तरेन रणशिंग, तुतारी, झांज, कांसाळें बी वाद्यां व्हडा आवाजांत एक सारकीं वाजपाक लागलीं. तेंय नुपुरो जावन दोनूय वटेनचीं वाजंत्रां वाजतालीं! बायलां पदां म्हणटालीं. वांगडा सुरसुरबाण, मांराद, फोगोटी हांचो गडगडाट चलतालो. व्हंकलकारांनी येवन न्हवऱ्याक येवकार दिवन भितर व्हरतना तर राम ऐताळांक उपाट जुवानपण आयिल्ले भशेन दिसलें. हे वटेन शीनाल्या हातांत माटवांत घुसतना रुप्या काठाचो एक राजदंडय आयलो.

लग्ना माटोव पळयतल्यांक हें दुसरेपणाचें लग्न म्हळळो विचारच येवचो साध्य नाशिल्लो. वयर वस्त्रां लावन केल्लो माटोव, बेगड बी लावन केल्लो झगझगपी मंटप, ताजे दोशींय वाटेन आशिल्ले भटांचे पंगड, एकेवटेन दादले आनी दुसरे वटेन बायलो! शिवाय भायल्यान मल्लांची खांच रूंद करून पळोवपी सुदिरांची भुरावळ!

न्हवऱ्याकय त्या दिसा खूब समाधान जाल्लें. होंवळो शीनाकय समाधान जाल्लें. असमाधान जावपाक फाव आशिल्ल्या ऐताळाले नवे मांयकय समाधान जाल्लें. ऐताळांक बसून खावपाक पुरो जावपा इतली जमीन आसा म्हूण कळिल्ल्यानच ही सोयरीक जाल्ली. न्हवऱ्याक वय चड, शिवाय घरांत सवतय आशिल्ली, हाका लागून चली दिवपी काळीज कळवळचें सहज आशिल्लें. पूण ऐताळांनी श्रिंगारून येवन बसपाची रीत, माळ घालच्या वेळार जुवाना परस जुवान जावन तांणी राविल्ली तरा आनी सगळया परस चड म्हळयार लग्नावेळार पारोतीन माटवांतल्या सगळयांकडेन मेकळया मनान वागिल्ली पद्दत पळोवन हें घर आपणाले सत्यभामेक कांयच हरकत ना अशें तांकां दिसलें. न्हवरेकारावटेन आयिल्लें भांगर पारोतीन आपणेंच भितर पावोवन मुखार जावपी सवतीक श्रिंगारिल्लें पळोवन तर तांच्या मनांत कसलोच दुबाव उल्लो ना.

एका कारणाक लागून सरसोतीक मात वायट दिसलें, पारोतीक त्या दिसा नवे दागिने घालपाक मेळळे नात म्हूण. इतलेंच न्हय, तर होळळागेचें भांगर जें हाडपाचें केल्लें तेय कसल्या तरी कारणाक लागून मेळनासतना राविल्लें. ह्या एका कारणाक लागून तिका असमाधान आशिल्लें. तरी तिणें तें दाखयनासतना पारोतीक "तूं कितें ल्हान तर? कित्याक

जाय श्रिंगार तुका? सोड'' म्हूण समाधानाचें उतर म्हळें.

ऐताळांच्या हाताताल्यान पैसो सुटप कठीण. तरी पूण ह्या लग्नांत तांणी तांकी परस चड हात मेकळो सोडिल्लो. वांगडा शीनाल्या हातांत सगळो कारभार दिल्लो आशिल्ल्यान हात सोडून खर्च करपाकच जाय आशिल्लो. आपणालो पुरोहीत म्हळ्ळया अभिमानान तांगेले बरें मागपी लग्ना माटवांत येवन भरिल्ले. तांणी भरपूर अहेर, कापडां, खण बी न्हवऱ्या-व्हंकलेक दिले. न्हवरेकारान दक्षिणा दितनाय मातय हात आंवुळ्ळो ना.

कितलोय त्रास जालो तरी शीनमब्ब्या चार दीस मेरेन सदां न्हवरेकारा गेरसून पडमुन्नूराक यो वच करत आशिल्लो. शिवाय त्रास नाका वा खर्च नाका म्हूण व्हंकलकारांनी वेवस्था केल्ल्या पडुमुन्नूराच्या बिराडांत रावलो ना. लग्ना उपरांतचे दोन दीस दोन-दोन व्हडीं चड लावन सगळया मानादीक न्हवरेकारांक न्हंये वाटेनच व्हर-हाड केल्लें. दिसउजवाडाचो वेळ आसतालो म्हणटकच न्हवरेकारांचीं व्हडीं कसलेंय काम जरी नासलें तरी हंगारकट्टे बंदरार विसव घेवनच तोन्सेक वचपाची वेवस्था केल्ली.

तिसऱ्या दिसा दूदतुपाचे विधीक गेल्लें दिबण लग्ना दिबणा परस चड गडगडाटान गेल्लें अशें पळयिल्ले सांगताले. दिबण राती वेळार वतना ताजो गडगड वाडोवचो कसो हाजी खुबी शीनप्पा समजलो. त्या दिसा ताणें खंयच्याय तळट्माडाचीं सुकिल्लीं चुट्टां दवल्लीं नात. तीं हाडून तांच्यो चुट्ट्यो बांदून वतना येतना एकेकट्या कडेन पेटयिल्ल्यो दोन-दोन चुडी दिवन पन्नास जाणांचें दिबण पांचशें जाणांचे दिबण कशें दिसपासारकें ताणें केल्लें.

चतुर्थीचें सकाळचें दिबणय अशेंच गेलें. पडुमुन्नूरचे मादप्पय्यान त्या दिसा जेवणाक लाडू आनी पुन्नपोळी केल्ली. दिबणाचो होंवळो ''शीनप्पमय्याक'' गडगंज मान मेळ्ळो. ''शीनप्पमय्यान'' 'तानेक' मागल्यार दोन-दोन आडसरां तांकां सोलून दिवपाक जाय म्हूण मानायांक व्हंकलकारान सांगूनच दवरिल्लें.

ह्या लग्ना उमेदींत एकूच एक आडखळ आयली ती चतुर्थी दिसा मंत्राक्षते उपरांत जाल्लें सांजेचे बसकेंत. शीनप्पा कांय ना जावन पडलो. तो उलयत-उलयत पाना विडो खायत आसतना ताका सुपारी लागली, काय पानांत कितें आशिल्लें कोण जाणा! शीनप्पाली तकली घुंवली, दोळयांर काळोख आयलो. न्हवऱ्या सकट सगळयांक ताजी उस्तवारी करची पडली.

पाना विड्यांतलें ओलें फोपळ लागिल्ल्यानच शिनय्याक तशें जालें आसत. शिनप्पान आपणालीं उस्तवारी करपाक आयिल्ल्यांक चड त्रास जाता अशें दाखयत, तांचे कडसून जाता तितली चड सेवा करून घेतली. तितल्यांत सरसोतीय भिरांतेन धांवत आयली. ''कितें जालें शीनण्णा?'' ती कळवळ्ळी. ''पान सोरोप जाल्यार घात जायत! पयलीं फोपळ भिजयिल्लें उदाक पिवयात. पोटांत गेल्लें एक खेप ओंकून गेल्यार भिरांत ना.'' म्हूण तिणें उपाय सांगलो. राम ऐताळान भिवन ''तितलें करात सायबा. म्हज्या कार्याक आयिल्ल्याचेर संकट कित्याक? देवा मर्याद राख.'' म्हळें. ही खबर कानार पडटकच पारोतीन अमर देवाक नाल्ल केळीं सांगून घेतलीं.

कांय ना जावन पडिल्ल्या शीनाक आपणाचेर फोपळ भिजयिल्लें उदाक पिवपाचो प्रसंग येवचो न्हय अशें दिसलें देखून ताणें रोखडेच दोळे उगडले. थंय जमिल्ल्यांक सू जालें. भोंवतणी आशिल्ले बाजून गेले. दोगा मानायांनी वाळया आयण्याक परमळाचें उदाक लावन

तांकां वारो घालो. ह्या उपचारान तृप्त जावन शीना उठून बसलो. जावं देवान हें एक संकट चुकयलें म्हूण सगळयांक समाधान जालें.

ऐताळांचें लग्ना दिबण वतना जाल्ल्या गडगडा परस चड गडगड करत चौथ्या दिसा राती घरभरणी घरा आयली. पारोती व्हंकलेकडेन उलयत चलताली. लग्नावेळार चार दीस घडिल्ल्या घडणुकांचेर ऐताळ आनी शीनप्पा उलयत आयले. ऐताळांक तर ही सोयरीक देवलोकांतल्या कडेन जाल्ले भशेन खोस जाल्ली. एक गजाल सोडली जाल्यार हेर सगळे बाबतींत शीनाकय समाधान जाल्लें. तागेली एकच तक्रार आशिल्ली- "हे शिवळळीचे लोक गोडांत हात बुडोवनच रांदप करतात.' म्हळी. "गोड थोडें चड जाता खरें." म्हूण ऐताळान म्हळें. तें आयकले नंतर लागीं बशिल्ल्या एक सावकारान "शीना, फाल्यां तुमगेलें घरभरणी जेवण आसतलें न्हय? तेन्ना एक मूठभर मिरसांग जास्त घालून उडय." म्हळें

ऐताळांक हांसो आयलो. शीना उलयलोच ना. कित्याक म्हूण तेन्ना जरी कोणाक कळळें ना तरी कांय दिसांनी तें सगळया गांवाक कळपाक लागलें. ह्या लग्नाचो होंवळो जाल्लो शीनप्प पडुमुन्नूरांत 'शीनप्पमय्या' जाल्लो गांवच्या लोकांक बरें दिसलें नाशिल्लें. तागेले इश्ट ताका 'शीन, शीनमय्या' म्हूणच आपयताले. पूण ह्या चार दिसांत लग्ना माटवांत होंवळो म्हूण मिरयिल्लो शीन, शीनप्पमय्या जावन आदरार्थी भौवचन मेळोवन घेवन बशिल्लो. अशा वेळार आपणालें म्हत्त्व कळनाशिल्ल्या लोकांकडसून "हांव-तूं" म्हूण म्हणून घेवप ताका आतां मानवना जाल्लें.

त्या उपरांत कोणेंय ताका 'शीनमय्या' म्हळयार तो केप्याभशेनच आयकलें ना अशें दाखयतालो.

सत्यभामा ऐताळागेर पावली. तिगेलें गोत्र बदल्लें. वांगडा पडमुन्नूरकारा भशेन कपलार लावचो उबो कुकूम ना जावन पारोती भशेन आडवो कुकूम ती लावपाक लागली. ते पळोवन तिका शिवळळीचो वारोय लागलो नाशिल्ले भशेन सगळयांक दिसलें.

अशेंय आसलें तरी फाटल्यान भोंकत "व्होडागेरची चली हाडपाचे आशेन ऐताळान अर्द शिवळळीकारा कडेन सोयरीक केली. भटपण करतल्यान अशीं न्हयनस्ती पद्दत घालप सोबता?" अशें दुशण दिवपीय आशिल्ले.

○

7

ऐताळागेर नवी घरकान्न हाडली खरी, पूण घरांतल्या दोगांय बायलांक "ही शिवळळी वा अर्दशिवळळी घराण्यांतली..." म्हळली खंत आशिल्लीच. सरसोतीक रीत-रिवाज अनवाळपणाचें बी इल्लें चड आशिल्लें. लग्नाची ही सुदारिल्ली पद्दत तिका मनांतल्यान मानवली ना.

लग्ना उपरांतच्या स म्हयन्यांतले तीन म्हयने तिजे हांगा घोवागेरच गेले. जशें दीस वताले तशें सरसोतीक तिगेली चाल-चलणूक, रीत-रिवाज समा आसा अशें दिसलें. शिवळळी पद्दतींत वाडिल्ली आसतनाय कोटकारा भशेनच ती एक सादी बायल म्हूण तिका पटपाक लागलें.

सुरवेक घरांतलें काम पारोतीच करतालीं. आतां आपूण जावन सत्यभामा तिगेल्या कामांत हातभार लावपाक लागली. हिणें नाका म्हळें तरी "हांव करतां ते" म्हणटाली. एक-दोन म्हयन्यांभितर आयदनां घांसचीं, सान्न मारची, जमीन सारोवपाची आनी हेर सान सान कामां एकेक करत तिणें आपणाकडेन घेतलीं. केन्ना केन्नाय गोरवांक चरपाकय घेवन वचपाक लागली. घरांत येवन इतले दीस जाले उपरांतय तिणें आपणाकडेन घेना आशिल्लें एकच काम म्हळयार रांदपाचें. रांदपाक कळना म्हूण न्हय - लग्नाच्या चवथ्या दिसा घरभरणी येतना शिवळळीगेरचें रांदप कशें आसता हाजेर जें उलोवणें चलतालें तें तिगेल्या कानार पडिल्लें. त्या जेवणांत गोड घालतात अशें घोवालेंय मत जाल्लें ती जाणा जाल्ली. देखून ती रांदपाक भियेताली. रांदचे कुडींतलें वांटपाचें, वाळपाचें बी असलीं कामां तशी ती करताली. पूण मुख्य रांदपाचें कामाक मात तिणें हात लायलो नाशिल्लो. पारोतीनय तिका तें सांगलें ना.

एक दीस शीनप्पा थंय पावलो. आयिल्लोच ताणें विचारलें "हय वो ऐताळानूं, तुमगेले सत्याचें रांदप कशें जाता? अजून पडमुन्नूर आसा, काय कोडी मेरेन पावलां?" ती येवन स म्हयने जाले तरी तिणें रांदिल्लें ऐताळ जेवले नाशिल्ले. तांणी तिका आपोवन "सत्या, आज फक्कड रांद आनी आमकां झक्कास वाड. आमगेली सोयरीक जुळयिल्लेय हांगा येवन पावल्यात, पारोतीली सदांची ताकाकडी आनी आंबट खावन आमकां बेजार आयला." म्हळें. पूण हें आयकून तिका मात धस्स जालें. "उहूं" म्हणत लजतच ती भितर धांवली.

दनपरां जेवणा वेळार ऐताळा कुशीकच शीनप्प बशिल्लो. ताका जेवण कशें जायत हाजो भरवंसो नाशिल्ल्यान जेवपाक बसचे पयलीं पोरसांतल्यो चार मिरसांगो किरवटीक खोवनच तो आयिल्लो. त्यो मिरसांगो ताणें न्हेशिल्ल्या परकाळया किरवंटींतल्यान सत्यभामेक दिसल्यो बगर रावल्यो नात." "आब्बा, जायत शिनप्पा!"म्हूण तिणें मनांतच म्हळें. भिवन बाबडेन त्या दिसा गोडाफाडाकडेन नदरय घुवंडायली नाशिल्ली. तिणें पळयलें तें सरसोतीकडेन म्हळें." तांकां म्हज्या रांदपाचेर भरवंसो नाशिल्ल्यान. किरवंटीक मिरसांगो खोवनच आयल्यात." ताका बरी बुद्द शिकोवया म्हूण सरसोतीन रांदपांत चारचार मिरसांगो

मुद्दाम चड घाल्यो आनी वाडलें. शीनप्पान जीबेर उंडी दवरली. ती बरीच तीख लागली तरी ताणें तशें दाखयलें ना. पूण ऐताळांक सामको भगभग पडिल्लो. तांणी हांसत "शीनप्पा, जेवण कशें जालां? सत्यभामा कोडींतलीच अशें दिसना?" म्हळें.

शीनप्पाक हय म्हणप उणेपणाचें दिसलें. "हें तीख जालां? गोड थेंबोभर चडच पडला अशें दिसता. तुमकां हें तीख लागता जायत, पूण म्हाका तशें लागना." म्हणत किरवटींतल्यो चार ओल्यो मिरसांगो घेवन जेवणांत कालोवन तो जेवलो. पूण "हो मनीस सामकोच फटकिरो" म्हूण बायलांक दिसले बगर रावलें ना.

त्या दिसा "जेवण बरें जाल्लें, तिखसाण चड घालनाशिल्ली जाल्यार सामकेंच बरें जातालें" म्हूण ऐताळान बायलेली तोखणाय केली. हे तोखणाये उपरांत सत्यभामेचेरय केन्ना केन्ना रांदची पाळी येवपाक लागली.

लग्ना उपरांतचें वर्स म्हणटा म्हणसर सोंपलें. कुळारा साकून तकली सकल घालून घरा येतना सत्यभामा पारोतील्या खांद्याक पावनाशिल्ली. पूण ह्या स म्हयन्यांत ती घसघशीत वाडिल्ल्यान तिगेलें कपल दारार आपटतालें. लग्न जालें तशें तीन म्हयन्यांतच फोळशेपण जालें आनी वर्स सोंपमेरेन पोटार कापडय जालें. आतां बाळंतपणा खातीर ती पडमुन्नूराक पावली. पारोतीक खिणाखिणाक तिगेलोच हुसको जातालो. "तिका चलो जायत, काय चली जायत? बाळांत जातना त्रास जातले, काय ती सुखान बाळांत जातली?" हें ती परत परत चिंतताली. सरसोतीक जावं, पारोतीक जावं आतां घराण्याचो दिवो पेट्टलो म्हूण खूब खोस जाल्ली. "चलो जाल्यार पुरो. इतले दीस वाट राखिल्याक देवान एक चलो दिल्यार वंशाचो उद्धार तरी जातलो" म्हूण दिसाक चार-चार पटीं तरी तीं म्हणटालीं. "चलो जाल्यार अमर देवाक नाल्ल-केळीं दितां." म्हूण पारोतीन सांगूनय घेतलें. सरसोतीक आपणाल्या पांयाचेर भरवंसो आशिल्लो. त्या बळार तिणें "आणे दोंगरावेल्या गणपतीक ताजेकडेन येवन नाल्ल दितां" म्हूण सांगून घेतिल्लें. इतलेंच न्हय, तर चण्याची पंचकांदय बी सांगून घेतिल्ली.

म्हयने भरत आयले तशे सत्यभामेली खबर घेवपाक दोन दोन दिसांनी एकेका मानायाक ऐताळ पडमुन्नूराक धांवडावपाक लागले. कांय नखेत्रां बाळांत जावपाक बरीं नासतात म्हूण ते जाणा आशिल्ले. ते गीम सरपाचे दीस जाल्ल्यान जावपी भुरग्याक धगाचो त्रास जायत वा एकाद्रो झडमोड्याचो पावस पडल्यार थंड वाऱ्याचो त्रास जायत म्हूण तांकां भिरांत दिसताली. हुसक्याक लागून मांव्रागेर वचून रावपाकय ते फाटीफुडें पळोवपी न्हय आशिल्ले. पूण तांगेली बांदून घेतिल्लीं पुजेघरां आशिल्लीं. वांगडा शेता कामाचो व्यापय आशिल्लो.

जेन्ना ते शेता बांदार भोंवताले जावं वा पुजे घरांत, गणहोम बी करत आसताले जाव, तेन्ना तांचें लक्ष सगळें जावपी भुरग्याचेर आसतालें! "हें नखेत्र खंयचें? हां, हें आवयक बरें न्हय. हें खंयचें? हें बापायक बरें न्हय. ह्या नखेत्राक जल्माक आयल्यार धनलाभ आसा. ह्या नखेत्रांत तशें लुकसान ना. पूण बरें अशेंय म्हणपाक जायना." अशे तरेन ते दर एका नखेत्राची जल्म घटके वांगडा तुळा करून पळयताले.

अशें तांणी केल्लें गणीत आनी तांचो अदमास त्या त्या वेळार तरी समा जावचो प्रसंग आयलो ना. निमाणें ते बेजाल्ले. "पारोती कितें हें? तुगेल्या पोक्या हिशेबार भरवंसो दवरून वाट पळयल्यार सगळेंच फसतलें अशें दिसता. म्हाका विचारशी तर तिका आतां

आठच म्हयने जाल्यात.'' म्हूण निराशेन तांणी म्हळें. सरसोतीन ''अण्णा, इतलोय हिशेब कळना तुका? फोळशेपण खंयच्या म्हयन्यांत जाल्लें? तेन्ना साकून आतां समा णव म्हयने जाले. चड म्हळ्यार आनी आठ धा दिसांत बाळांत जावपाक जाय. चार दीस तशे चड उणे वतीत. पूण ताका लागून मळब कांय कोसळचें ना.'' म्हळें. अशे तांचे दीस वचत आसतना त्या गिमा दिसा दनपारच्या वेळार न्हंये देगेर येवन थंयची माती उसपून वयर घालपाचो विचार तांणी केलो. ती घाल्ली माती सुकतकच शेतांत घालपाक जाय आशिल्ली. असल्या सानसान कामाक पड दिल्यार उपकरना म्हूण घरच्यां वांगडा तांणीच तें काम करपाचें थारायिल्लें.

न्हंये मदीं एक व्हडें व्हरून उदकांत पुरिल्ल्या एका कोंड्याक तें बांदलें. तांणी तातूंत चिकोल भरपाक आयदन घेतिल्लें. तें घेवन उदकांत बुडप आनी तातूंत चिकोल घेवन वयर येवप. हाडिल्लो चिकोल व्हड्यांत ओतून परत बुडप. हें काम तशें सोपें न्हय. उमेदीचेंय न्हय. आंग-तोंडभर चिकोल जातालो. उदकांत बुडटना चिकोल धुंवन वतालो. जेन्ना वयरच चिकोल मेळटा तेन्ना चड वेळ स्वास कोंडून धरचो पडना. पूण चिकोल चड खोलायेर आसल्यार बुडपाचेंय त्रासाचें जातालें. आंग वयर उफेवपाक दिनासतना उदकांत बुडून रावप, आयदनान चिकोल बरगून तो भरप आनी उपरांत वयर हाडप हेंय त्रासाचें काम आसतालें. तें काम करतल्याक जाय तो वेळ मेरेन स्वास कोंडून दवरपाचो अभ्यास जाय. मिठा उदकांत दोळेय उगडपाक जायनात.

तिगांनीय दनपार मेरेन केल्ल्या यलाक लागून व्हडें अर्द भल्लें. तितल्यांत तांगेल्या कामांत आडखळ आयली. पैसल्यान शेता बांदावेल्यान कोण तरी ''ऐताळानूं, ऐताळानूंऽऽ'' म्हूण उलो मारतालो. त्या वेळार व्हडें खोल उदकांत बांदिल्लें आशिल्लें. जमनीचेर पांय दवरून उबें रावप कठीण आशिल्लें. देखून कोण आपयता तें पळोवपाचेंय साध्य जाय नाशिल्लें. व्हड्याक हातान धरून उदकांत पांय मारत मान घुंवडावन हेवटेन तेवटेन पळोवपाक जाय आशिल्लें. मान कितलीय वयर करून पळयलें तरी कोण आपयतालो तें ऐताळांक दिसना जालें. कारण मदीं कांट्या झुडपां आसलीं. तोंड दिसना जावन ''कोण थंय आपयता? हांगाच येयात. चिकोल काडत आसां.'' म्हूण ऐताळान आड्डून सांगलें.

तांगेलो आवाज पयस मेरेन घुंवलो. सोदत आयिल्ल्याक तो आयकलो. तो व्हडें आसा त्या दिकान आयलो. आंगभर सगळो चिकोल जाल्ले ऐताळ फकत काश्टी न्हेसून व्हड्याच्या एका पोंतार बशिल्ले. पारोती आनी सरसोती आपणालें काम करतच आशिल्लीं. तीसेक वर्सां पिरायेचो एक तरनाटो तांकां दिसलो. तो ऐताळा सामखारा रावनच ''ऐताळानूं, ऐताळानूं...'' असो उलो मारपाक लागलो. हांणी 'ओ' म्हळें. ताका बाबड्याक हांची वळख मेळना जावन हेवटेन तेंवटेन पळोवपाक लागलो. पूण ताजी वळख ऐताळाक मेळनासतना कशी रावत? ''अरे, आमगेलो मेवणो आयला. ह्या अवतारांत म्हाका तो वळखलो ना दिसता. आयलों आयलों... म्हणत तांणी उदकांत बुडी घेवन आंग धुलें आनी व्हड्याक धल्लें. थंयसूनच ''सत्याचें कितें जालें?'' म्हूण विचारलें.

पूण थंय उबो आशिल्ल्या तरनाट्याक तें ध्यानांत गेलेंच ना. हांचो अवतार पळोवन तो थक्कच जालो. तांचो तो धंदो पळोवन तो अजापलो. तसो तागेरय शेता धंदो चलतालो. पूण तांगेलें शेतकाम अशे तरेचें नाशिल्लें. शेत खंडाक दिवन येता त्या उत्पन्नाचेर तो सुखांत

वाडिल्लो. आपणाल्या भावोजीचें हें सगळें पळोवन ताका कितेंशेंच दिसलें. "ऐताळ एक घट कूळ" म्हूण तो जाणा जाल्ल्यान ताका तांणी अशें चिकलांत वावर करप बरें दिसलें ना. घरच्या बायलांनीय मानग्याभशेन चिकलांत बुडिल्लें पळोवन तो गोंदळ्ळो. आपणाले भयणीकूय हें काम करचें पडता काय म्हूण ताका दिसलें.

तो असो विचार करत आसतना उदकांतल्या व्हड्यार बसून ते आलतडेन पावले. ऐताळान मेवण्याक पळयत "हांगा कित्याक उबें रावप? घरा वचूं या. सत्या बरी आसा मूं?" म्हूण विचारलें. "तें बाळांत जालें. दोगांय आरोग्यान बरीं आसात.' ताणें जाप दिली. "कितें जालां?" सरसोतीन विचारलें. "चलो" जाप आयली. "खंयच्या नखेत्राक?" म्हूण विचारत ऐताळ थंयच गणीत करपाक लागले. "नखेत्र बिखेत्र सगळें मागीर पळोवया. घरांत आयिल्ल्याक तानेक दिवपाक जाय काय नाका? व्हडें हांगाच दवरया. रातीं चिकोल काडपाक जातलो. आज चान्नेंय आसा." सरसोतीन म्हळें.

मेवण्याक मुखार चलपाक लावन ऐताळ घराकडेन वचपाक लागले. तांचे फाटोफाट घरचीं बायलां येवपाक लागलीं. मेवण्यामुखार आपणालो अवतार पळोवन घरा पावतासर ऐताळांक लज दिसले बगर रावली ना. "पाट्याक वयर अडकावन दवरिल्ली शेंदरी पातळावन तूं थंय बस. तळये उदकात एक बुडकी मारतां आनी येतां. ह्या अवतारांत घरांत वचना." अशें तांणी म्हळें. मेवणो घरा सोप्यार खांब्याक फाट लावन बसलो. ताणें नदर घुंवडावन पळयलें जाल्यार ताका शेंदरीय दिसली ना वा रंगय दिसलो ना. म्हणटकीर तो जमनीरच बसलो.

तळयेंत न्हावन सगळयां परस पयली सरसोती धांवतच आयली. "आरे, शेंदरी मेळ्ळी ना?" म्हणत भितरले कुडींत आशिल्ली रंगा शेंदरी पातळावन ताका ताजेर बसपाक सांगलें. धांवत रांदचे कुडींत वचून तिणें रात्रीक उजो सानकिलो. तितल्यांत थंय ऐताळ पावले. तांणी आंग पुसलें. परकाळो न्हेसून पुडी डबी काडली. एक चिमटी आपणें घेवन मेवण्या मुखार ती दवरली. "ओ तूं ओडना दिसता." अशें म्हळें. तो ओडना हें जाणा आसतनाय ती डबी ताजे मुखार कित्याक दवरली जायत? ताजें कारण इतलेंच, ती तांगेली सदांची पुडी डबी न्हय. पोकळ बेलफळाक बुराक काडून तंबाकू देंठाची गुड्डी घाल्ली ती तांची सदची डबी. पूण आतां जी मुखार दवरिल्ली डबी आशिल्ली ती आपणें भायर वतना व्हरपाची चिनी मातयेची. तिका रुप्याचो कांठ आशिल्लो. वयल्या धांकण्याकय चांदीचो मुकूट आशिल्लो. ती व्हडय आशिल्ली आनी रंगाचे शेंदरेर दवरल्यार बरी सोबताली.

"बाळांतराचो त्रास चड जालो? आंगार बी चड गेलें ना मूं? भुरगो कसो आसा?" म्हळ्ळी चौकशी चलता आसतनाच सरसोतीन पांय धुवपाक उदक हाडलें. एका पेल्यांत ताक आनी पोटार कापडा वेळार केल्ल्यांतली पापड-वडी एका ताटलेंत दवरली. तिजे फाटोफाट पारोतीय आयली. "भुरगो कसो दिसता- आवय भशेन, काय बापाय भशेन?" तिणें विचारलें. "आतां तें कशें कळटलें सांग? तांबडो पिटकुळो कसो आसतलो." ऐताळान म्हळें.

"पिटकुळो कसोच आसचो ना. तिका पळयल्यार भुरगो आंगान बरो जातलो अशें दिसतालें. हें तर तिजें पयलेंच बाळांतपण. म्हणटकर पिटकुळो कसो जायत?" सरसोतीन विचारलें.

"भुरगो गोरो धवो जावन, आंगानय बरो जाला. माथेंभर केंस आसात. दिसपाक मात कोणा सारको दिसता कोण जाणां! म्हाका कळना. हांचे सारकोय आसत." मेवण्यान म्हळें. पापड-वडी खायत हांसत, मजेंत ते उलयताले. एक खीणभर पारोतीलें मन अस्वस्थ जालें. ती रांदचे कुडींत गेली "म्हज्या नशिबांत पुताचो योग बरयलो ना देवा!" म्हणत काळखांत बसून रडली. मागीर कितें दिसलें कोण जाणा, तिणें मनाक सावरलें. "चलो जाला. फाल्यां अमरदेवाक नाल्ल-केळीं दिवपाक विसरपाक जायना." म्हणत ती भायर आयली. इतल्यात तिका आनीक एक विचार आयलो. सत्यभामेक बाळंटेराचो त्रास कितलो जालो कोण जाणा? आपणें चवकशी करपाक जाय आशिल्ली अशें दिसून ती सोयऱ्याकडेन आयली. "त्रास बरेच जाले आसतले न्हय?" तिणें ताका विचारलें. "जाले आसत." ताणें शिटूकसाणेन जाप दिली. बायलांक जावपी अणभवाविशीं ताका कळटलें तरी कितें? तरी ताणें अदमासान जाप दिल्ली.

सांज जायत आयली. "बाप्पान राती मेरेन घरा पावपाक सांगलां. घरांत दादलो मनीस दुसरो ना. हांव आतां वतां." ताणें म्हळें. पूण ऐताळान सोडपाक जाय न्हय? "बरो धंदो तुगेलो. बरी खबर घेवन आयिल्ल्यान गोडशें जेवन वचपाक जाय. अशेंच वचप म्हळयार कशें? सकाळीं हांवय वांगडा येतां. आतां कसली ताकतीक आसा?" म्हळें.

"ना. गेल्याबगर उपाय ना..." ताणें गणमणत म्हळें.

"बाळांती कडेन दादल्याचें कसलें काम!" ऐताळान ताका मुखार उलोवपाक दिलेंच ना.

तांगेल्या ह्या उतराचेर परत उलोवपाची धिटाय मेवण्याक जाली ना. दुसरो उपाय नासतना ताका रातचें रावचें पडलें. पारोतीन धांवत वचून शीनागेरच्यान तोरीदाळ उश्णी हाडली. राती जेवणाक तोरीदाळी तोया वांगडा अपरूप अशे आळवाचे पत्रोडेय वाडिल्ले. पापड, वडी तळिल्ली. फोवा पायसय केल्लो. "येंळ बी घालून केल्लो पायस सुरबूस जाला" म्हूण ऐताळाले जिबेन तोखणाय केली. भिडेस्त मेवणो दुसरें मत कशें सांगत? ताणेंय "बरी जाल्या" म्हळें. फोवा पायस जिवाक बरो म्हूण सांगून पारोतीन ताका तो आग्रहान वाडलो. फोवा पायस आनी पत्रोडे पोटांत गेल्ल्यान सांजे पळयिल्ल्या चिकलान उपाट भरिल्ल्या व्हड्याभशेन मेवणो आंगान जड जालो. जेवल्या उपरांत तो शेंदरेर बसलो. मुखार भाजिल्ल्यो काजूबियो दवरिल्लि. एका पडग्यांत बरें धेंप्या गोड दवरिल्लें. आतां उश्यार तकली दवरपाक मेळयार पुरो अशें सोयऱ्याक दिसता म्हणसर, आपणागेर येवन तोरीदाळ उश्णी व्हेल्या म्हूण बायलेन सांगिल्लें आयकून कोण आयला तें पळोवया अशें दिसून शीनप्पा थंय येवन पावलो. "अरे वा, पडमुन्नूरकार आयल्यात! भोव बरें जालें." ताणें म्हळें.

"शीना, आमगेले सत्यभामेक चलो जाला खंय! चलो जायत काय चली जायत म्हूण विचारांत पडिल्लों. पूण नरसिंव देवाले कृपेन पूतच जालो." ऐताळान खोशेन सांगलें.

"तशें तुमीच म्हणटाले न्हय, तिगेल्या जातकांत तीन चलेच आसात म्हूण? चली कशी जातली?" शीनान म्हळें.

ताजे मुखार खावच्या पानाचें ताट आयलें. तेन्ना ताजें मन दोनूय कडेन घुंवतालें. पयलीं काजूबियांचेर ताव मारप आनी उपरांत पान खावप अशें ताणें थारायलें. "पडमुन्नूकारांक काजूबियो आवडनात काय कितें?" म्हणत ताणें एका खिणांत शंभरेक बियांची ताटली

रिकामी केली. सगळें खावन सोंपतकर "ऐताळानूं, काजूबियो खाल्यार उश्ण म्हणटात. पूण करचें कितें? पाडपडिल्ले जिबेक केन्नाच नाका जायनात." म्हळें. आतां ताजें लक्ष पानाचेर गेलें. "हो सोयरो पानसुपारीकय आफुडना काय कितें?" म्हणत आपूण पान खावपाक लागलो. तंबाकू तोंडांत घालून खातां-खातां ताका खोस जाली. "कितेंय जावं आमचे ऐताळ एक दादलो म्हूण आज सिद्ध जालें." ताणें म्हळें. न्हिदसुरो जावन झेम काडत आशिल्लो सोयरो हांसलो. ऐताळांक कितेंशेंच जालें. तांगेल्या तोंडांतल्यान उतर भायर सरलें ना. हें पळोवन शीनानच मुखार म्हळें "हांवें त्या अर्थान म्हळळें न्हय... भुरगीं हांगसून थंय थंयसून हांगा घरांत भोंवले बगर घर बरें दिसना. शिवाय पिंड सोडपाक घरांत एक चलो जायच म्हूण शास्त्र आसा न्हय?"

"सोयऱ्याक न्हीद आयली आसतली. हे चौकेर बरो वारो येता. तळ्टमाडा चुडटां घालून केल्लें नवें उशें आसा. ताका तकली लायता म्हणसर दोळो लागतलो." म्हणत ऐताळान आपणेच विणिल्ली मांद्री आनी उशें दिवन ताजेर एक जमखान पातळायलें. सोयरो आड पडलो मात, न्हीद केन्ना लागली तें ताका कळळेंच ना.

ऐताळ आनी शीनप्पमय्या एकमेका सामखार बसून उलोवपाक लागले. उंडेलाची दिवली मंद पेटत आशिल्ली. "हे दिवलेंत तेल ना काय कितें?" ऐताळान विचारलें. "न्हिवयात तो दिवो. भायर पिठाभशेन काय बरें चान्नें पडलां. कित्याक जाय तो दिवो कर्माक?" म्हणत ऐताळान दिवो पालयलो आनी ते आपणाल्या मांवागेरच्यांचें व्हडपण सांगपाक लागले.

केदो वेळ मेरेन हें उलोवप चलतालें कोण जाणा, पूण शीनप्पान "रात खूब जाली अशी दिसता. झेम येवपाक लागली, घरा वतां." म्हणटना सरसोती आनी पारोती न्हंये बांदावेल्यान आयलीं आनी घरा मुखाल्लें तळयेंत त्या दिसाचें चवथें काय पांचवें न्हाण सोंपोवन आंगणांत पावलीं.

"कोण तीं, सरसोतीमाय काय कितें? ह्या राती वेळार कुणग्यांक उदाक घालपाक गेल्लीं?" शीनप्पान विचारलें.

"ना शीनप्पा, सोयरो आयिल्ल्या बोवाळांत व्हड्यांत भरिल्लो चिकोल सकल उसपी नासतना आयिल्लीं. फाल्यां सकाळीं तें व्हडें कल्याणपुरा व्हरपाचें आशिल्ल्यान आपणालो घोटाळो करनाकात अशें आगेर गोविंदान सांगिल्लें. ते खातीर तांतली चिकला माती शेतांत घाली आनी व्हडें धुवन तागेल्या घरा लागीं धडेर बांदून आयलीं. त्या चिकलांत काम केल्यार रावपाक जाता? न्हावनच आयलीं." सरसोतीन जाप दिली.

शीनप्पान आपणाल्यां संसारांतली बरीवायट खबर सांगली. उपरांत घरा वतना ताका पूड ओडपाची तलफ आयली. "ऐताळांनू तुमकां न्हीद लागली? ना जाल्यार एक चिमटी पूड दियात पळोवया." म्हळें. किरवटींतली पुडे डबी काडत ऐताळान आंगणांत येवन ती शीनप्पाल्या हातांत दिली. एक खेप पूड नाकांत भरून एक चिमटीभर पूड हातांत घेवन "बरी कडक आसा हां. तुमचे भशेन आमगेल्या गांवांतल्या पूड विकतल्यांकय अशी पूड करप जमना पळयात." म्हणत तांची तुस्त केली.

"ते पूड करतात. पूण ते पुडींत जो चुनो घालतात त्या प्रमाणांत लोणी घालपाक हात फाटीं घेतात. तसली ती पूड चार आठ दीस ओडल्यार दोळे भगभगपाक लागले बगर रावनात!" अशें आपणालें व्हडपण दाखोवपाक ऐताळान म्हळें आनी परतून ते चौकेर गेले.

शीनप्पान घरा पावतकर चिमटेंत आशिल्ली पूड नाकांत भरली. ऐताळाली पुडे-डबी रुप्याकाठाची आशिल्ली हें ताका तेन्ना ध्यानांत आयलें. "हो भट बेलफळाची डबी सोडून रुप्यागुड्डेची डबी केन्नासाकून वापरपाक लागलो?" म्हळ्ळो विचार येवन तो चिंतपांतच पडलो. घरांत न्हिदलो तरी ताका ताजेच सपन पडलें. आपणाली रुप्या डबी कोणे तरी चोरिल्ल्याचो भासय ताका जालो.

मेवणो आयिल्ली ती रात सोंपली आनी उजवाडलें. घरांत आयिल्ल्याक कितेंय बरें खावपाक दिवपाक जाय न्हय? त्या वेळार कॉफी बी नाशिल्ली. पारोतीन फोडणी फोव केले आनी सोयऱ्यामुखार दवल्ले. मुगादाळ थंडायेक बरी अशें दिसून ती शिजोवन गोड घालून ताजें कण्ण केल्लें. देवा पुजेचें काम शीनप्पाल्या चल्याक करपाक लाय म्हूण सांगून ऐताळ न्हावन मेवण्या वांगडा तानेक बसलो. "पोट तुंबट जालें पळय. आतां आमकां वचपाक हरकत ना. सत्याक पळयनासतना म्हैनोभर जालो... आमगेर पळय, रोवपाचें आनी पोरसांतलें बी काम आमीच करतात. शेतकामाक मानाय मेळनात म्हूण न्हय. तर तांकां कामाक आपयल्यार तांचे कडेन लक्ष दवरचें पडटा. मात लक्ष दिलें ना जायत तर एकाचे धा करतले. उलयत वेळ होगडायतले, पूण काम करचे नात. हें अशें जावचे परस, कितलोय त्रास जालो तरी हें काम आमीच करचें बरें अशें आमकां दिसता. कामय जाय तशें जाता." घरच्यांनी आदल्या दिसा चिकोल भरिल्लो पळोवन मेवण्याक कितेंय दिशिल्लें आसत तर तें ना जावपाक ऐताळान म्हळें. उपरांत "तुमकां घरचें शेत कितलें आसा?" म्हूण मेवण्याक विचारलें.

"बाप्पायक धांवपळ करप जमना. सदां वाय येवन ताका त्रास जाता. मेळटा तें मेळूं म्हूण ताणें सगळें शेत खंडाकच दिलां."

"मागीर तुगेलो वेळ तरी कसो काडटा तूं? तुगेल्या बापायचें सोड, तुवें तरी ह्या वयांत पोरसूं - बिरसूं करून जमनीची उदरगत करपाची न्हय?"

"केल्यार जाता; पूण म्हाका शानभोग जावपाचें आसा."

"तुमगेल्या घराण्याक शानभोगकीचो हक आसा तर?"

"आमगेल्या घराण्याक तसो हक ना. पूण आमगेल्या एका सोयऱ्याक तो आसा. तो मेळटलो. पांयशेक रुपया दिल्यार तो आमकांच मेळटा. आनी कितें जाय?"

"शानभोग जालो जाल्यार खूब बरें जातलें. मानाचो मान मेळटा आनी पैसोय येता. शानभोग जालो जाल्यार तुमगेल्या घराचे अस्तमतेक ती सरकारी जमीन आसा पळय, ती मात कशीय करून तुगेल्या नांवान करून घे. आज न्हय जालें तरी पन्नास वर्सां उपरांत तरी ते जमनीक मोल येतलें."

अशे तरेन त्या तरनाट्याक चार बुदवंतकायेचीं उतरां सांगत ते पडमुन्नूराक पावले. तांणी मांवागेर पांय दवरतनाच भुरग्याचें रडप तांगेल्या कानार पडलें. "भुरगो इतलो रडटा कित्याक? बरें ना काय ताका?" ऐताळान विचारलें. मेवणो कितें जाप दितलो? तोय भायल्यान आयला न्हय?

मादप्पय्या मांवान ऐताळांक येवकार दिलो. नातवाल्या जल्मा खबर तांणी जांवयाक व्होडा खोशेन सांगली. न्हाणोवपाक व्हेल्ल्या भुरग्याक घेवन वैजीण तेन्नाच घरांत येताली. पानां घालून तापयिल्ल्या उदकान मातय फडपूस करनासतना बरें न्हाणयिल्ल्यान तांबडो

आशिल्लो तो भुरगो आनिकूय तांबडोगुंज जाल्लो. उदकाचे हुनसाणेन ताळयाक जीब लायनासतना तो किळांच मारतालो. "न्हाणयतना हो इतलो रडटालो दिसता." म्हणटना ऐताळांक येदोळ रडचें आयकल्ल्या वेळार जाल्ली भिरांत ना जावन समाधान जाल्लें.

"ऐताळांनू, भुरगो आमगेल्या सत्याभशेन दिसता, काय तुमचे भशेन?" मांवान विचारलें.

"पळयल्यार सत्याचोच प्रभाव चड दिसता."

"दोळे मात तुमचेच." मांयन भितरल्यान येवन म्हळें.

* * * *

ऐताळांक चल्याचें तोंड पळोवन खूब खोस जाल्ली. तागेलें नांव लक्ष्मीनारायण दवरलें. जातकांत तें लक्ष्मीनारायण म्हूणच बरयिल्लें जरी आसलें तरी आपयतना मात त्या दिसासाकूनच 'लच्चा' जालें.

बाळांत जाली त्याच म्हयन्यांत सत्यभामेक घरा हाडचो विचार ऐताळांचो आशिल्लो. आशाढांतल्या दर्या भशेन तांचो पुतावेलो मोग उफेवन आयिल्लो. तिका धाडून दियात म्हूण तांणी सांगून धाडपाचेंय केल्लें. पूण सरसोतीन मदींच तोंड घालें. "गांवाक एक रीत जाल्यार तुका वेगळीच रीत. तीन म्हयने मेरेन बाळांणन कुळारा रावपाचो नेम. हें तर तिजें पयले बाळांतपण. एक म्हयनो जाता थंय आसा; आतांच हाडचें कित्याक? आनी हो वेळ तरी कसलो! ज्येश्ठ म्हयनो सोंपता मात. पावस एक खेप लागल्यार उसंतय घेवचों ना."

"ज्येश्ठ सोंपल्या उपरांत कितें आशाढांत हाडप?"

"आशाढ आनी श्रावण हे दोनूय म्हयने सोपूंक जाय. पावसाचो भार उणो जावन, शेताकापणी सोपोवन हाडल्यार बरें. म्हाका विचारशी जाल्यार नवरात्रेत घटस्थापने वेळार हाडल्यार चड बरें." सरसोतीन अशें म्हळे नंतर ऐताळांक तें मानचेंच पडलें.

पावसांतले ते तीन म्हयने सत्यभामेल्या हुसक्यांत ऐताळान कशें काडले आसत तें देव एकटोच जाणा! घटस्थापनेक पंदरा दीस आसतनाच "पाळणें खंय बांदचें? पणसा फळयांचें एक सोबीत पाळणें करपाक जाय" म्हळल्या विचारांतच ते आशिल्ले. रांदचे कुडींतल्या सालांतच एका वटेन मल्लांची तट्टी बांदून बाळांतिणी कूड तयार केल्ली. खंयच्यातरी एक बोड्ड्या मेस्ताक आपोवन हाडलें. ताणें आठ दीस मेरन तासून तासून पणसाचें एक सोबीत पाळणें केलें. "ह्या पाळण्याचें वजन तोलपाक कोटेश्वर रथाचो राजू हाडचो पडटलो." सरसोतीन मेस्ताली तोखणाय केली. पाळण्याचें काम सोंपत आयिल्ल्या वेळार "तुजी बुद्द कसली बाबत सायबा? पाळण्या फळयार सूर्य, चंद्र बी काडनासतना तशेंच रिकामें दवरलां कित्याक?" पाळण्यार चित्रां नात तें पळोवन ऐताळान शिणकेत म्हळें. जोडिल्लें पाळणें उसोवन, ताजेर सूर्य, चंद्र कोरातपाक मेस्ताक आनीकय दोन दीस लागले.

घरा मेस्त कामाक येवपी हनमाचारी पिरायेन जाणटो. कामाक तो बोड्डो जरी आशिल्लो तरी तागेले जिबे धार पात्याभशेन सुमाराची आशिल्ली. पाळण्याचें काम करपाक आठ दीस काडल्या उपरांत ताणें एक दीस ऐताळांक सावकासायेन "धनयानूं, तांदूळ भरून दवरपाक तुमगेलें चौकेर एक बल्ल जाय. बल्ला बगर चौकेक सोबाय नासता. घरा फाटल्यान एक पणस आसा. तो वांकडो तिकडो आसा. ताज्यो फळयो काडपाक जावच्यो

नात. पुण शेंडो कापल्यार एक व्हडशें बल्ल करपाक जातलें'' म्हळें.

राती जेवपाक बशिल्ल्या वेळार सरसोती भावाक उलयली. ''त्या हनमाचें आयकून पणसार कुराड घालनाका. कांय ना म्हळयार पन्नासेक चाके ताका लागतात. तो पणस रसाळ आसलो तरी रुचीक बरो. ताका ताजें कित्याक पडलां? बल्लाच्या निमतान दोन म्हयने मेरेन दिसवडो सुट्लो हें तो बरो जाणा.''

सरसोतीलो विचार कुशीक सारप ऐताळांक साध्य नाशिल्लें. ''पूण हांवें ताका फाल्यां यो, कितें तें पळोवया म्हळळें.''

''पळोवपाचें बिळोवपाचें कांय ना. तागेल्या भुलोवपी उतरांक तूं 'जायत' म्हणशी! तें कांय नाका. तूं सकाळींच उठून घरांतल्यान भायर सर आनी थंय वचून अमक्या दिसा सत्याक धाडून दिवपाक सांगून यो. हनमाक कितें सांगचें तें सांगून हांव धांवडायतां.'' सरसोतीन फर्मायलें.

सरसोती सांगता तें तांकां पटलें. हनमाल्या तोंडांतल्यान सुटपाक ते सक्काळ फुडें पडुमुन्नूराक भायर सरले. त्या उपरांत हनमाचारी खांकत आयलो जाल्यार ''मेस्ता, बरी येवजण तुजी! वर्साक चार चाक्या कुंवले, पन्नासेक पणस खावपाक मेळटात तेंय ना करपाक आयलो काय कितें तूं? बल्ल बिल्ल कांय नाका. ज्या घराक मुखावेल्या दाराक कवडां नात थंय बल्ल कित्याक जाय?'' म्हणत सरसोतीन ताका थंय थारच दिलो ना.

* * * *

नवरात्रे वेळार सत्यभामेक आनी लक्ष्मीनारायणाक घरा हाडलें. सगळयांनी लक्ष्मीनारायणाक 'लच्चा' म्हूणच आपोवपाक सुरवात केल्ली. चलो घरांत येवन वर्स जातेर आयलें तरी तो ''बापाय भशेन जाला, काय आवय भशेन जाला?'' म्हळें मात कुवाडेंच उरले. एकेकटो एकेक तरेन सांगतालो. कांय जाणानी तर तो ''जुस्त कोदंड ऐताळा भशेन दिसता'' अशें म्हणून आज्या भशेन तो दिसता म्हूणय सांगलें.

सत्यभामेन घरा आयिल्लो वेळ बरो आसपाक जाय. सरसोतीन जाय ते फावटी एक बरी गाय विकत हाड म्हूण सांगूनय घरा पावनाशिल्ली गाय सत्यभामा आयिल्ल्या एक म्हयन्यांत घरा पावली! देवा दयेन बाळांतीक दुदाची अडचण जावपाची ना म्हूण ऐताळांक खोस जाली.

दिसान दीस लच्चाची उपाट अपुरबाय जावपाक लागली. पारोती, सरसोती, आवय, बापूय कोणय चल्याक सकल दवरपाक तयार नाशिल्ले. आतां मेरेन कोंडून दवरिल्लो ऐताळांचो मायपास आतां मेकळेपणान व्हांवपाक लागिल्लो. चल्याल्या आंगाक वारो लागचो न्हय, वत लागचें न्हय, थंड जावपाक जायना, गरम जावपाक दिवंनाकात अशें घटके घटकेक वैजा भशेन ते वैजकीशास्त्र सांगताले.

ह्या कांय दिसांत तर तांणी नवी रीत सुरु केल्ली. पुजा बी नाशिल्ल्या दिसा ते बायले बरोबर खबरो मारत बसपाक लागले. सत्यभामा वणटीक फाट लावन बसल्यार लागसाराकच खांब्याक फाट लावन ते बसताले. मदले मांद्रेर लच्चा आसतालो. लच्चा जल्माक आयिल्ल्यान सत्यभामा राणयेपाटार पाविल्ली म्हळयार जाता. लच्चाल्या कंबराक एक भांगरा सरपळी करून घाल्ली. ते विशीं ''आमगेल्या लच्चाली सरपळी कोणालेय नदरेक

भरपा सारकी आसा'' म्हूण ते गर्वान म्हणटाले. केन्ना केन्नाय घरायेवन वचपी शीनप्पय्याले नदरेकय ती पडले बगर रावली ना. घोव-बायल मुखार आसतना शीनप्पा तांची तोंडार तुस्त करतालो, उतरांनी भुलयतालो आनी पापड-वड्यो हाडपाक लावन ताजेर ताव मारतालो. पूण खरेपणान ताका मनांत समाधान नाशिल्लें. ''गांवांतल्या सावकाराल्या भुरग्यांक धड रुप्या सरपळी घालपाक मेळना आनी ह्या भटुरड्याल्या पोराक भांगराची कित्याक जाय?'' म्हूण तो मनांतल्या मनांत तडफडटालो.

''आमगेल्या पुताली सरपळी कशी दिसता?'' म्हूण ऐताळान विचारल्यार ''सरपळी भांगराची म्हणटकच ताज्या मोला भशेन ती आसची पडली ना?'' अशी जाप दितालो. पूण उपरांत रोखडेंच ''अशी भांगराची सरपळी घालप बरी न्हय. ताजेर सदां नदर दवरची पडटली. भुरग्यांच्या आंगार तशें भांगर दवरप समा न्हय तें.'' म्हणटालो.

''अशें कितें काबूल, कंदाहारचे लुटमारे हांगा येवपाचे आसात काय कितें?'' ऐताळान तेन्ना हांसत म्हळें.

○

8

हालीं शीनप्पा ऐताळागेर चड यो-वच करत आसा. आयलो तसो तो लच्याली खबर घेता. उपरांत सत्यभामेली तुस्त करता. त्या उपरांत आपणाले तापत्रय सांगत बसता. आयिल्ल्या वेळार ही ताजी सदांची रीत आशिल्ली. शीनप्पाल्यो तश्यो एकदोनच अडचणी न्हय, शेंकड्यांनी आसताल्यो. "आज एक कुडोव तांदळाची गरज आसा" "सांजे दोन पड कुळीद नासत तर कशेंच जावपाचें ना", दुसऱ्या दिसा "पन्नासेक मल्लां", तिसरे दीस "एक मुडी भर कुंडो" अशे तरेन एक ना एक मागपाक तो शेंकड्यांनी निमित्तां सोदून काडटालो. ऐताळाल्या लग्ना निमतान जाल्ली इश्टागत अशीच वाडत गेल्ली. शीनय्याली गरज आसप आनी ती ऐताळान पूर्ण करप हें सदांचेंच जाल्लें. सांजवेळार हातांत चार वांयगण घेवन ऐताळ गेल्ले दिसल्यार पुरो, तिळसांज जाता म्हणसर शीनप्पा तांगेर येवन सत्यभामे कडेन "कुळिदाचो सार, चाक्या रोस, तवंश्याचे आंबट खावन वीट आयला, एक वांयगण आसल्यार दी बाये." म्हूण मागतालो. तें हातांत पड मेरेन आपणालें पुराण थांबयनाशिल्लो.

पूण एक मात खरें. शीनप्पाली ताजे खातीर तोखणाय करपाक फाव. अशे तरेन कितेंय मागपाक वो उश्णे व्हरपाक ताणें येवपाचें आसत तर तो पारोती आनी सरसोती दर्या वेळेर वो शेतांत गेल्ली वेळ सादूनच येतालो. त्या वेळार येवन सत्यभामेली तोंडभर तुस्त केल्यार ताणें मागिल्लें घरात नासलेंय जाल्यार ताका मेळटालें.

इतलो तांगेर घोळत आसतनाय शीनप्पाक ऐताळाविशीं जाय ते कळपाचेंच आशिल्लें. "तांच्या हातांत पै-पैशे घोळटात आसतले अशें ताका दिसतालें. पूण "पावली-अधेलीय घोळटात जायत" अशें मात ताका दिसनाशिल्लें. "हाता बोटावेलो' म्हणटात न्हय तशें थंयचे थंय उत्पन्न-खर्च जुळोवन घेवन ऐताळ जगतात आसतले अशें ताजें मत आशिल्लें. पूण लग्ना वेळार इतलो पैसो उदका भशेन खर्च करूनय तांणी कोणाकडेन एका पैश्याचेंय रीण काडलें ना तें पळोवन मात ताका अजाप जाल्लें. "ह्या भटान खंय तरी शंभरेक रुपय पुरून दवरिल्ले आसत" अशें ताका दिशिल्लें. लग्ना उपरांत तांतलो एकय पैसो शिल्लक उरपाचो ना अशेंय ताका दिशिल्लें. पूण त्या उपरांत एका वर्सान तांगेर तागेलो मेवणो आयिल्लो त्या वेळार तांणी आपल्या हातार दवरिल्ली रुप्याची पुडे डबी पळोवन "हां, ऐताळ घट आसा तर" अशें ताका दिशिल्लें. लच्चा घरा आयल्या उपरांत तागेल्या कंबरांत जेन्ना भांगरा सरपळी ताणें पळयली, तेन्ना ताजो अदमास खरो जालो. भुरगो आयिल्ल्या थोड्या दिसांनी "ही सरपळी आज्यान घाल्या?" काय म्हूण विचारिल्ल्या वेळार "ना, ती बापायन घाल्या." अशी घरच्यांनी जाप दिल्ली. त्या वेळारच तागेलो ऐताळाविशींचो आदरय वाडिल्लो. "हें कूळ बरें घट्ट आसतलें. सादेंसुदें न्हय" अशेंय ताका दिशिल्लें. एक दीस ताणें आपणाली तकली लडोवन गणीत घाल्लें. "कोदंड ऐताळ केन्ना भायर पडलो? त्या उपरांत राम ऐताळान भटपण सुरू करून कितलीं वर्सां जालीं? तांकां आसात तीं

पुजेघरां कितलीं? वर्साक सुमार कितलीं स्राद्धां जातात? लग्ना-मुजीं कितल्यो जातात? सगळया कामांतल्यान तांकां दक्षिणा कितली मेळटली?'' हाजो ताणे हिशेब केल्लो. ''आरे, ह्या भटान तशें पळयत तर हजारा परस चड रुपय सांठोवन दवरिल्ले आसूंक जाय'' म्हळ्ळया निर्णयाक तो पाविल्लो. ''इतलें आसत तर तांतले दोनशेंक रुपया ताणें म्हाका रीण दिल्यार ताका कितें धाड मारत?'' म्हळो विचारय ताचे तकलेंत घुंवलो. हो विचार आयलो तेन्ना साकून ताणे तांगेर मीठ, मिरसांग, आमसाण बी जें कितें पयलीं मागतालो तें मागपाचेंच बंद केलें.

सदां दनपारचें जेवण जालें तशें ऐताळागेर येवपाची ताका आतां संवयच जाल्ली. सत्यभामा आनी ऐताळ उलयतेर बसतात ती वेळ सादूनच तो येतालो. आयलो तसो तो तोंड बंद कित्याक दवरतलो? ''ऐताळानूं, तुमगेले बायलेलो हात नळराया भशेन हां! पयर तिणें फागलांचो काय कसलो गोज्जू केल्लो पळया, तसलो हांवें आज मेरेन केन्नाच खालो नाशिल्लो. तसलो उडुपांत समराड्ने जेवणा वेळार करतात जावंये! फकत गोज्जूच न्हय, तिणें उदकाक फकत फोण्ण घालून जरी वाडलें तरी तो सुरबूस सार जाता.'' ताणें सत्यभामेली तोंड भरून तुस्त केली.

एकेक पंता ऐताळ खोशेंत आसताले. तेन्ना तें मनांतलें उलोवन सोडटाले. ''तशें पळयत तर पारोती कामाक मागशीं ना. सरसोतीय तशीच. त्यो दोगीय रांदप करपाक फाटीं नात. आमगेले सरसोतीक रांदप, जेवण जाल्यार जालें. तें सुरबूसच उरपाक जाय अशें कांय ना. सत्याचें तशें न्हय. तिका गरज नासतना चड करपाचीय संवय ना. तिणें रांदिल्लें येदेंय पानार सोडून वचन अशें दिसना. ती आयली तेन्नासाकून हांव घरांत पोट भरून जेवपाक लागलों. म्हजी पाडी भटाली जीब. धा कडेन बरेंबरें जेविल्ल्यान असलें तसलें जेवण जिबेक बरें लागना. तरी पूण सत्यालें जेवण जिबेक अजून बरें लागता.'' ऐताळानय तिगेली तोखणाय केली.

''तें मात खरें. तें म्हाका त्या दिसाच कळिल्लें. खंयचो दीस पळया तो, तुमगेर मणगणें केल्ले तो? हांव मेलों तरी ताजी रूच विसरपाचो ना.'' शीनप्पान तांगेल्या उतराक तेंको दिलो. अशे तरेन सत्यभामेली तुस्त केल्यार तांचेर ताजो कितें परिणाम जाता म्हळो तो बरे भशेन समजल्लो. तशेंच आपणाल्या भुरग्या परस चड लद्याचेर आपणालो मोग आसा अशेंय तो दाखोवपाक लागलो. मदींमदीं जेन्ना सत्यभामा मात पैस आसताली तेन्ना ल्हवूच, पूण तिगेल्या कानार पडत अशा आवाजांत तिगेल्या घोवाकडेन ''ऐताळानूं, ती पडुमुन्नूरची. तुमगेल्या मांवान, मेवण्यान कोणेंय शेतांत माती व्हांवयली ना वो खोरेंय उखल्लें ना. तुमगेले सत्यभामेविशीं म्हणटां, हांगसल्ल्या कन्याण, कोडी गांवांतल्या भशेन ती शेतां-भाटांत वावर करप नकळ. तुमीय तिका माती, सारें, बी व्हांवोवपाक लावंनाकात.'' म्हूण बुदवंतकायेन तो सांगतालो. तेन्ना ''शीना, हांव म्हळयार निसा फातोर म्हूण केला काय कितें तुवें? म्हाका व्होडागेरची चली हाडपाक कळटा आनी तिगेलो सांबाळ करपाक कळना अशें तुका दिसता काय कितें?'' ऐताळ म्हण्टाले.

सत्यभामा घरा आयली तेन्ना साकून सरसोती आनी पारोती भशेन तिका उदाक शिंपपाक, माती व्हांवोवपाक, शेत रोवपाक बी धाडचें काय धाडनये म्हळो विचार ऐताळा सामखार उबो जाल्लो. आपणाली व्हडली बायल वतांत तापता आसतना, धाकटेक चौकेर

माणायेर बसोवन दवरप बरें दिसपाचें ना हेंय ते जाणा जाल्ले. आपणाले सवतेन वावर केल्लो पळोवन आपणें घरांतच बसून रावप बरें दिसनासतना सत्यभामा कामाक गेल्लीय आसा. पूण ऐताळांक तोंडान 'नाका' म्हणपाक जायनाशिल्लें. अशा वेळार ते एकेक वेळ शिटूकसाणेन "उदाक शिंपपाक कोण वतात तीं वचात, पूण लच्चा कडेन मात कोणे तरी एकटेन आसपाक जाय." म्हणटाले. हें आयकलें तशें पारोती "सत्या, तूं चल्याक पळय. हें काम सदचेंच आसा. तें हांव करतां." म्हूण तिका परत धाडटाली.

ऐताळ सत्यभामे वांगडा उलयत बसताले. दिशीं दिशीं आपूण जुवान जायत आसां अशें तिज्या सहवासांत तांकां दिसतालें. तिज्या वांगडा खोशयेंत वेळ सारपाची इत्सा जावन ते कितेंय तरी निमित्त सांगून उदाक शिंपपाक वचनासतना रावताले. हे वटेन तांगेली ही पक्षपात करपी अपरबुद्ध सरसोतीचे नदरेंत आयले बगर राव नाशिल्ली. ते घरांत कापडां हाडल्यार व्हडलेक स पावलीचें आनी धाकटेक दोन रुपयाचें हाडटाले. हाडिल्ल्या वेळार 'हाजें मोल कितलें? ताजें मोल कितलें?' म्हूण सरसोती भावाक विचारताली आनी उलयतालीय. पूण सत्यभामेल्या कुळारातल्यांक आपूणय पैशेकार म्हळें व्हडपण दाखोवपाचें आशिल्ल्यान हो पक्षपात वाडतच वतालो.

कितेंय जावं, तांच्यांत जावपी ह्या बदलाक शिनप्पालो मात सदां तेंको आसतालो. तशें केल्ल्यान ताका लाब कितें आसा काय म्हणश्यात? लाब आसा काय ना तुमीच पळयात. लग्न जावन दोन वर्सांय जालीं नात, शीनप्पा दोनशेंक रुपया रीण मेळोवपाक ऐताळा फाटीक लागलो. "शीना, रीण घेवप बरें न्हय. कित्याक जाय तें? ते भानगडेंत पडनाका तूं" असो ताका उपदेश करपाक ऐताळ फाटीं रावले नात. तरी ताणें शेंकड्यांनी अडचण्यो ऐताळांक सांगल्यो आनी "म्हारायांनू, तुमकां भरवंसो नासत जाल्यार दोन साक्षिदार घेवन कागदार बरोवन दितां." म्हूणय सांगलें. ऐताळांक दुसरो उपाय ना जावन शेकड्याक तिनाप्रमाणें कळंतर लावन रीण दिवचेंच पडलें.

रीण दिल्ल्या स म्हैन्या उपरांत शीनान रीण घेतिल्ल्याचें एक कारण कळ्ळे. त्या वेळार कोडी गांवांत कोणालेंय नळया घर नाशिल्लें. सगळे कोलवा घरांत रावताले. दर्या वाऱ्याक नळे तिगनात अशें गांवांतल्यांक दिसतालें. चल्याक भांगरा सरपळी घाल्ल्या ऐताळांकय घराचेर नळे चडोवपाचो विचार आयलो नाशिल्लो. पूण शीनप्पाक मात आपणाल्या घरार नळे चडोवन मिरोवपाची इत्सा जाल्ली. ऐताळांचो दुसऱ्या लग्नाचो गडगड पळोवन आपणेंय दुसरें लग्न करचें अशें ताकाय दिशिल्लें. पुण तागेली बायल तोंडान जबर. वाग्देवी पारोती भशेन भोळी न्हय. तसो प्रसंग आयल्यार ती तागेल्या कानाकय पीळ घालपाक फाटींफुडें पळोवपी न्हय. उपाय ना जावन तो विचार ताणें कुशीक उडयलो आनी आपणाले उपाट उमेदीक दुसरी वाट मेकळी करून दिली. घरामुखाल्ले वटेन उत्तरे दिकान तोंड करून चौकी बांदून व्हड दार बसोवप, चौकेचें घटण वणट्यो मातयेच्योच असल्यो तरी खांबे आनी कवडां बी पणसा लाकडाचीं करून हनमाचारी कडसूनच कोरांतून घेवप, आनी वयर नळे घालून घेवचे असो विचार ताणें केलो. नळे कुंभारान केल्ले गांवठी नाकात. तीन नंबरचे आसले तरी हंगारकट्टे बंदरार मचव्यांतल्यान येतात ते मंगळूर नळेच घेवचे असोय ताणें विचार केलो. "बंदरावेल्या सावकारांनीच नळया घर बांदपाक जाय म्हूण कांय ना." अशें ताका दिसतालें. घरा भोंवतणी कश्याकशेय वाडिल्ले तळटमाड कापल्यार जाय तितले

पकाशेय मेळटले अशेंय ताका दिसलें.

ऐताळा कडसून रीण मेळटलें हाजी खात्री जाली त्या दिसाथावन शिनप्पमय्या कामाक लागलो. ताणें, तागेले बायलेन आनी भुरग्यांनी दर दिसा वेळ मेळटा तशी माती व्हांवोवन हाडली आनी आपणाल्या पोन्न्या घरा मुखारच घटण घालें. माती कालोवन तांणीच जमीन केली. काम जाणा जाल्लो एक मानाय घेवन ताज्या वांगडा घरांतल्यांनीच काम केलें. व्हड दार आशिल्ली चौकी त्रासा बगर जायत कशी? पणसा लाकडान दारा चौकट करपाक जाय, खांबे करपाक जाय, तुळयो करपाक जाय. पुण ताणे पोरसात पणस केन्नाय लायलो नाशिल्लो. जेन्ना ताका व्हड दार आशिल्ली चौकी बांदचो विचार आयलो तेन्ना साकून तो कोणा कडेनय पणसा झाड वा पणसा नाट मेळता काय म्हूण चवकशी करपाक लागलो. एक दीस तो बारकूरा गेल्लो. थंय चौकशी करतना कोणा कडेन तरी थंयसून तीनेक मैलार ताका जाय तेदेंच झाड दिवपाचें आसा म्हूण कळ्ळें. ही खबर कळ्ळी त्याच दिसा सांजे ताणें त्या गांवात वचून कितें कात हाजी चौकशी केली. पैशे दिवन तें हाडपाचें ताका मनांत नाशिल्लें. आपणागेरचे धा तळटमाड थंय पावोवपाच्या करारार पणसा नाट हाडपाचें ताणें थारायलें. करार जाल्ल्या एका सप्तकांत तळटमाड पाडोवन, आपणाल्या वळखीच्या व्हडेकारांक फुसलावन तांचे फाटीक लागून, ते तांगेल्या व्हड्यांक बांदून, भरतेचो वेळ पळोवन एके रातीं भितर थंय पावयले. ताज्या दुसऱ्या दिसा ताका जाय आशिल्लें पणसा झाड कापून तशेच तरेन व्हड्याक बांदून घरा हाडलें.

लाकडा कामाक कोणाक आपोवचे म्हळ्ळो आतां प्रस्न पडलो. त्या गांवांत नांव घेवपा सारके दोगजाणच आशिल्ले- हनमाचारी आनी नागप्पाचारी. हनमाचारीलें मतरावणीचें काम परवडचें ना अशें दिशिल्ल्यान तांणी जुवान नागप्पा आचारीगेर रीण घेतिल्ल्यागेर पावटी मारतात तश्यो पावटी मारल्यो. तागेल्या दिसवड्याचे अर्द दुडू आतां दिवपाचे आनी उरिल्ले मुखाल्ल्या फाल्गुन म्हयन्यात दिवपाच्या करारार ताका आपोवन हाडलो आनी दाराची चौकट, खांबे, खिडकी, तुळयो बी चडोवन ऐताळा कडसून पैशे हातांत पडिल्ल्या दुसऱ्याच दिसा हंगार कट्टे बंदरार तो पावलो. 'एक दोन हजार नळयांक कितले पडटले'' म्हूण सगळया सावकारांकडेन वचून चवकशी केली. बंदरार येवन वचपी मचवे आनी पडावकारांकय ताणें मोल विचारलें. निमाणें 'हे सावकार सगळेच चोर; एकमेका कडेन उलोवन मोल थारावन घेतात जावंये.' म्हळया निर्णयाक पावलो. अशें तशें करत ''अर्द आतां आनी उरिल्ले दुडू स म्हयुन्यानी दिवपाच्या'' करारार नळे घेतले. ते व्हरपाक बेंग्रेतल्या मोगेरा फाटल्यान लागलो. अशे तरेन व्हडदारा चौकीचें काम पूर्ण जा मेरेन ताणें गांवातल्या खंयच्याय काम करप्याक न्हीद घेवपाक दिली ना.

दाराची चौकट करतना नागप्प आचारीक नाकाशिव जाल्लें. ''शीनप्पय्या, एक कैदासीण फाटीक लागल्यार उपकारत, पूण तुमचे हें कटकट मात सोंसपाक जायना'' अशें ताणें म्हणचो प्रसंग आयलो. ''चौकट अशी बसोवया'' म्हूण ताणें सांगल्यार शीना आयकता? ''दारार मानग्याचें तोंड, साळीक, पोपटा जोडी कोरयल्या बगर जावपाचेंच ना'' अशें तो म्हणटालो. ''काम वाडटलें आनी तितलो दिसवडोय वाडटलो'' म्हळयार ''तशें तूं म्हाका भिंवडावंनाका. हांवें गांठ नाशिल्लें पळोवन पणसा नाट हाडलां. लोण्याभशेन ताज्यो कापट्यो येतात.'' शीनान आपणालें व्हडपण मिरोवपाक तेन्ना सांगलें.

एके रातीं बापायन आनी चोरडांनी नळे वयर चडयले, पसरायले आनी एकेक सारके बसोवन काम सोंपयलें. शीनप्पा मेकळे सुवाती वेल्यान आपणालें घर कशें दिसता तें पळोवपाक न्हंये देगे मेरेन पावलो. "राती वेळार नळयांघर कितें, कोलवाघर कितें, दोनूय एकच. खरें म्हळयार दिसा उजवाडांतच तें पळोवपाक जाय" ताणें म्हळें. राती न्हिदल्यार ताका न्हीद तरी आयल्या! सकाळीं उठलो तो दांत घांसतच न्हंये देगे मेरेन वचून वत पडिल्ल्या वेळार आपणालें व्हड दारा चौकेचें घर पळोवन राजाल्या घरा परस तें उणें ना म्हळें समाधान जालें नंतरच तो घरा आयलो. "रंग लावपाचें काम सोंपलें उपरांत पारंपळळी वासदेव सावकाराल्या बंगल्या परस होच खरो बंगलो कसो दिसले शिवाय रावचो ना." अशें ताका दिसलें.

रंगबिंग लावन जाले उपरांत, कोटचे सातेक वचून आयिल्लो ताजो व्हडलो पूत नरसिंव एक नवी खबर घेवन आयलो. "बाप्पा, आमगेल्या घराचें नळयापाखें उत्तर दिकान तेक्कट्टे साकून, दक्षिण दिकान हंगारकट्टे साकून आनी उदेंते दिकान सास्तासाकून दिसता" अशें ताणें सांगलें. तें आयकून शीनाक आपणें अश्वमेध यागच केल्ल्याचें समाधान जालें.

एक दीस न्हंयचे उदेंतेक आशिल्ल्या एका गांवांत पुजेक गेल्ले ऐताळ सत्यभामेली याद आयली तशे घरा येवपाक बेगीन भायर सरले. न्हंयेंतल्यान येवपा खातीर तांणी मुखार पांय घालो मात, तांकां दर्यदिगेर एक नळयापाखें दिसलें. "हें कोणें सायबा आमगेल्या गांवांत घरार नळे चडयले?" म्हूण तांकां अजाप जालें. न्हंये आलतडेन पावन आपणाल्या घरा वटेन पांय घालपाक लागल्यार तांचे पांय त्या नळया घरा वाटेनच पडपाक लागले. "कोणालो आसत काय तो बंगलो?" म्हळी उत्सुकताय वाडिल्ली. पूण तितल्यांत तांगेल्या वांयंगण शेतांत चारपांच गोरवां चरतात तीं तांकां दिसलीं. तांकां आंबडून घालपाक ते तेवटेन धांवले आनी त्या नळया घराची गजाल विसरले.

त्या उपरांत एक दीस कित्याक कोण जाणा, ऐताळांक अचकित शीनाली याद जाली. "सत्या, आमगेलो शीनप्पा रुपय घेवन गेल्लो तेन्ना साकून परतून ताणें तोंड दाखयलें ना. तो ते परत दीत मूं?" तांणी दुबावान विचारलें. त्याच खिणाक देणप्यातल्यान शीना थंय पावलोच. "ऐताळानूं, शीना मेलो काय आसा म्हळो दुबाव मारलो आसतलो तुमकां!" ताणें येतनाच म्हळें. सत्यभामेन शिटूकसाणेन "शीनप्पय्या, तुमी येतात तें म्हाका दाखोवनच तांणी मुद्दाम तशें म्हळें." ऐताळानय हांसत ताका यो बस केलें. ते घडणुकेन ऐताळांक बायलेची बुदवंतकाय जाणवली. "हिगेल्या हातांत दुडवा पेटी दिल्यारय जायत" अशें तांकां दिसलें. दिली ना ती गजाल वेगळी.

आतां शीनाकडेन उलोवपाक जाय. ताणें म्हळया उतराक आपणें जाप दिवपाक जाय म्हूण "तशें न्हय शीना, दिसाक चार फावटीं येवपी तूं, आठ दीस जाले तरी नदरेक पडना म्हळयार आमी कितें समजुवप सायबा?" म्हळें.

शीनान आपणालें पुराण प्रवचन सुरु केलें. "अशें पळयात ऐताळानूं, म्हज्या घरांतल्यो कटकटी एक न्हय, दोन न्हय. घरा मुखाल्लो पोन्नो गोठो हालोवन थंय एक व्हड दाराची चौकी बांदया म्हूण हात घालो. आमगेलें घर पळयिल्ले सगळे "अरे शीना, हें नासालें घर अशेंच उरतलें काय कितें रे?" म्हूण म्हजी मस्करी करून वताले. चार भुरग्यांक घेवन संसार करता म्हळे नंतर राती पडपाक एक सारकी सुवात तरी नाका?" ताणें प्रस्तावन

घालचे नदरेन म्हळें.

"हय्रे शीना, तुवें गोठो, व्हड दारा चौकी म्हळे नंतर याद जाली. पयर कोट बाजारा वचून येतना आमगेल्या आवाऱ्याचे वेळेर एक नळयाचें घर दिसलें. बरें झक्कास दिसतालें! कोण सायबा तो दुड्डु चड जाल्लो? दर्या वेल्यान दक्षिणे कडसून रंव रंव वारे सुटले जाल्यार पावसाळयांत एकय नळो उरपाचो ना." ऐताळान म्हळें.

शीनाक आतां उलयले बगर दुसरी वाट नाशिल्ली. रीण घेतले उपरांत ताजें कारण सांगपाक वाट जाय आशिल्लीच. पूण सांगपाक तोंड आयलें ना. ताणें उलोवप बदलायलें. "तें सगळें सोडात. तुमगेलो लद्मा खंय दिसना तो? ताका पळयनासतना मनाक समाधान जाय ना," म्हळें. इतल्यारच तो रावलो ना. "ऐताळानूं, तुमचें मत कितें? म्हगेल्या चल्याक, नरसिंवाक, बेंगळूरांत धाडचें म्हणटां. थंय आमगेल्या हेर्ळेकाराचें हॉटेल आसा न्हय? ताका धाडल्यार दर म्हयन्याक चार रुपया हातार दवरता म्हणटालो. म्हगेले थोडें रीण आसा. तें पावोवपाकय एक वाट मेळटली म्हूण दिसता. दुसरें कितें करपाक जाता? घरांत चार चले आसात. सगळे गांवांत रावन करतले कितें?"

"शीना, तूं पिसो! खंयचे खंयचे जातीचे खावन उडयतात तें उश्टें काडपाक देवान आमकां बामणांक जल्माक घालां व्हय? हेर्ळेकारांचे कितें? तांकां अन्न विकूनय जायना, दुडू हातांत आयल्यार जालो. घराचेर माळी चडोवपाक मेळटा न्हय?"

"ऐताळानूं, हेर्ळेकारांचें हॉटेल बेंगळूरांतलें एक नामनेचें हॉटेल म्हूण तिरुपतीक वचून येतात ते सांगतात. बेंगळूर शारांत तांकां भोव मान आसा खंय. त्या हॉटेलांत जेवण फकत बांमणांकच! आतां तुमीच सांगात, घरा बसल्यार कितें पोट भरता? आमकां फकत आठ मुडी शेत आसा. तातूंत रोयले जाल्यार कितलें मेळत? म्हजे फाटल्यान घराचे वांटे जाल्यार एकेकट्याक मेळटले तरी कितलें? दोन मुडी शेत. फाल्यां हांवें दोळे धांपल्यार तितल्यात तांचो संसार कसो चलत?... सगळो अपद्धर्म! विस्वामित्रान खंय दुकळ पडिल्लो तेन्ना सुण्या मांस खाल्लें. ताजे सारक्यालीय गत परिस्थितीक लागून तशी जाली. तुमी अन्न विकप काय म्हण्टात. अन्न विकप उणेपणाचें आनी तांदूळ विकपाचें मात व्हडपणाचें? उकडे तांदूळ करतना भात उकडटात म्हणटकर ते विकप म्हळयारय अन्न विकिल्ले भशेन जायना तर?"

"शीना, तुगेली जीब म्हळयार म्हाल्यालो वांकोर! हांवें मस्कऱ्यान म्हळें. तूं चल्याक बेंगळूरा धाड, नाजाल्यार मैसूरा धाड, बरो तरेन तो रावल्यार जालो. म्हाका ताजें कांय दिसना. पूण पैसल्या गांवांत जिवान बरो बी ना जालो जाल्यार थंय भुरग्याक पळयतलो कोण? चड शीक बी जावन घरा येवचें पडल्यार शिवमोगा पावपाकच चार दीस लागतात. हे सगळे विचार आयले म्हूण म्हळें."

"सगळें तांगतांगेल्या नशिबांतलें पळयात. थंयचें उदाक पिवचें कपलार बरयिल्लें आसल्यार थंय वचपाक जाय. घरा फोंडकुलांतलेच उदाक पिवपाचो योग आसल्यार तें पिवपाक जाय. पूण तशें हे बाबतींत भिवपाचें कारण ना. आमगेले वाग्देवील्या भावालो चलोय थंय आसा... शीक बी जाल्यार तो पळयले बगर रावता? कशेंय जावं, थंय धाडचे पयली तागेल्या गळयाक एक जानवें अडकावचें अशें दिसता."

"अशें, तुमगेल्या नरसिंवाक मुंज! जायत बाबा जायत. गेल्ल्या वर्साच ती जावपाक

जाय आशिल्ली. पूण तेन्ना गुरुबळ नाशिल्लें."

"गेल्ल्या वर्सा गुरुबळा परस चड पैश्यांचे बळ नाशिल्लें. तांदळा मुडीक स पावली म्हळयार कितलें जाताले सांगात? तांतले सरकाराक दिवपाचे दिवन उडयले नंतर हातांत कितें उरतलें! आतां तुमचो आदार देकून पांय पसरावपाक घराक एक व्हड दाराची चौकी बांदली. थंयच एक गणहोम करतां आनी मुंज बांदता. फाल्यां तुमगेल्या आशीर्वादान तो काम करतलो आनी म्हजें रीण मेकळें करतलो. बरें, आतां वेळ जालो. हांव आयिल्लो तो मुंजीचें आपोवणें दिवपाक. येता त्या सोमाराकच मूज दवल्ल्या. दीस चड नात. पंद्रा घटका जावचे आदींच जेवणा पंगत वाडपाचे करता. घरच्यांक सगळयांक घेवन येयात. म्हाका वेलेचाराक उलोवपाचें कळना. मनांत कितें आसा तें हांवच जाणां."

"अरे शीना, तुका सांगपाक याद जरी जाली नाशिल्ली, तरी तुगेर वाजंत्री वाजिल्ली आयकूनच हांव येवपी आशिल्लों."

"तुमकां म्हजेर तितलें आपलेपण आसा देखूनच अक्षते पडगो हाडपाक विसरलो तरी तोंडान सांगून मेकळो जालां. तुमी सगळे जाण येवन आशीर्वाद दिल्यार चल्याक वैदीक दिक्षा दिल्ल्याचें भाग्य मेळटलें."

अशें तरेन सुरवाती साकून निमाणे मेरेन सांगून शीनप्पा वचपाक ताकतिकेन उबो रावतना सत्यभामा थंय ना म्हळळें ताका ध्यानांत आयलें. "आरे, पडुमुन्नूरची यजमान गेली काय कितें?" म्हणत तो रांदचे कुडींत गेलो आनी सांगिल्लेंच परत सांगून घरा परतलो.

तो घरा वतना वाटेर शेता कुशीक सरसोती आनी पारोती मेळ्ळी. तांकांय आपोवणें दिवपाचें ताणें शास्त्र केलें. "सोमार दीस सगळे येवन सोडात! एक सानशेंच मुंजी शास्त्र करपाचें आसा." अशें म्हणटा म्हणसर ताणें पावलां मुखार घालीं.

"मुंजी शास्त्र काय घरप्रवेश?" सरसोतीन विचारलें.

"घर प्रवेश आनी कसलो! सगळें थंयचे थंय करपाचें. आमगेल्या नासाल्या घराक वैर चार नळे उडयले इतलेंच." तितल्यारच सोंपोवन कामाचें निमित्त सांगून तो ताकतिकेन घरावटेन चमकलो.

सरसोती आनी पारोती हांसत घरा गेलीं. दोनशीं रुपय रिणाची खबर तीं नकळ आशिल्लीं.

मुजीचो सोमार आयलो. "सगळे बेगीन उटात आनी शीनागेर चलात. सोयऱ्या भशेन दनपारांच वचनाकात." ऐताळान घरच्यांक सांगून दवरलें. "सगळयानी थंय वचून करचें कितें? तुवें आनी सत्यान चल्याक घेवन धा वरार आयल्यार पुरो. हांव आनी पारोती जरा बेगीन वतात. कितेंय चाळपाचें, भाजपाचें बी रांदचे कडेन काम आसतलें. तुगेल्या लग्नावेळार लग्नाक चार दीस आसतना ताणें आनी वाग्देवीन येवन आमचेर जाय ते उपकार केल्ले आसात." सरसोतीन म्हळें. ऐताळान "जायत" म्हळें. लद्याक घेवन नवे बायले वांगडा थोड्या वेळान सावकासायेन राजा भशेन वचपाचें ऐताळान थारायलें. सरसोती सकाळींच न्हावन तांगेर पावली. फाटोफाट पारोतीय तयार जाली. "मुंजाल्या हातार दवरपाक कितेंय घेवन येयात" तिणें वतना घोवाक याद केली. "म्हाका तितलेंय कळना तर?" ऐताळान जाप दिली.

सुमार धा वरांचेर ऐताळ चल्याक आनी सत्यभामेक घेवन भायर सरले. थंयसून

शीनप्पालें घर दोनशेंक पावलांर आसा. तरिकूय सोयऱ्यागेर वतात त्या झेतान ऐताळ चमकताले. मुखार वतना उंडी झाडांचो आडसर ना जालो तसो नळे घाल्लें घर दिश्टी पडलें. दारार घाल्लें आंब्याचें तोरण मुखाल्ल्या शेतांतल्यान भोव बरें दिसतालें. तें पळोवन ऐताळ शेता बांदार अजापान उबे रावले. "इतले लागीं आसूनय हें म्हजें दिश्टीक इतले दीस कशें पडलें ना?" तांकां अजाप जालें. तें तांणी सत्यभामेकडेन उलोवनय दाखयलें. सत्यभामेन "अरे, शीनमय्यान व्हड दाराची चौकी उबारल्या! आमकां दिश्टीक पडलें ना. ताजें कारण मदीं हीं वाडिल्लीं झाडां आनी रेंवेची दोंगुल्ल आसा न्हय." म्हळें. "जावं, कोणेंय रीण दिल्यार केद्दीय व्हड दाराची चौकी काडपाक जाता." ऐताळान म्हळें. इतल्यांत मुंजी घरांतल्यान येवपी वाजंत्र्याचो आवाज आयकून "पें, पें, जाता थंय वचया." म्हूण लच्चान म्हळें. सपासप चलत घराकडेन पावतकर ऐताळ घरकान्नी वांगडा तोरण लावन सोबीत केल्ल्या दारांतल्यान भितर गेले. भितर वतना आपणे चोयलें ना अशें जरी दाखयलें तरी कवडावेलें कोंरातिल्लें काम तांणी पळयलेंच. "हूं, बरोच दुडू ओतलो-सो दिसता." तांणी मनांतच म्हळें.

मुंजी घरांत पैलीं गेल्ली पारोती आनी सरसोती भितर काम करपाक मग्न आशिल्लीं. लच्चाक घेवन गेल्ले सत्यभामेकडेन बायलांचें लक्ष गेलें. सगळयांनी "चलो गोमटो आसा न्हय!" म्हळें. "सत्या, तूं एक पद म्हण, कशें म्हणटा ते पळोवया" जाण्ट्या सवाशीण बायलांनी आग्रो केलो. कांय जाणांनी तिगेल्या भांगराची चवकशी केली. "हांतले हांगचे खंयचे दागिने?" हीय चवकशी केली.

घरा भितर वचून ऐताळान म्हणचे म्हण म्हळें. "शीना, हांवें कितें करपाक जाय सांग. हांव तयारेनच आयलां." "कांय नाका, आरामात भायर चौकेर बसात. हांगा आयल्यात त्या पन्नास जाणाल्या रांदपा कामाक भितर आसात तेच पुरो..." म्हणत शीनप्पान तांचो आदर सत्कार केलो. ऐताळ चौकेर भितल्ले वटेन दिंबेक आनी फाटीक एक शाल गुटलावन बसले. शीनमय्यालो एक धाकलो पूत तळट्माडा चुट्टान केल्ले चार आयणे घेवन आयलो. आनेकटो मिरी आनी येळां पिटो घालून केल्लें गोड पानक घेवन आयलो. पानक पिवन धादोस जाल्लो एकटो "ह्या गिमा दिसांनी गोडा पानका इतलें बरें आनी कसलेंच ना. आमगेल्या वासदेव सावकारागेर व्होडपणा खातीरच लिंबारोस आनी साकर घाल्ले पानक करतात. पूण साखरेन कसली मातयेची थंडाय मेळटा? गोडाची थंडाय ताका आसता तर?" म्हळें.

आयिल्ले सगळे जाण "शीनमय्या बरो बुदवंत सायबा. कुंभारालें काम करप जमत जाल्यार नळे तयार करपाक फाटींफुडें पळयनाशिल्लो तो. मुंजी शास्त्र करतनाच एक व्होड दारा चौकीय बांदून मोकळो जालो! खरो धिटायेचो मनीस!" म्हणत तागेली तोखणाय करपाक लागले.

"शीनप्पमय्याली बुदवंतकाय तुका आतांच कळळी? ऐताळाल्या लग्नावेळार तागेली करामत तुवें पळयली ना? शीनप्पमय्याले दरारो पळोवनच पडुमुन्नूरकारान तिनशीं आडसरां सोयऱ्यांक पिवपाक हाडिल्लीं. तागेल्या जाग्यार कोणूय सादो मनीस आसतालो जाल्यार ते गोडा उदकारच सारशिताले. तेन्नाच म्हाका दिशिल्लें - हजार रुपय तिर्वो दितल्यांकय आमगेल्या शीनप्पालो दरारो नासतलो म्हूण."

"ही व्होड दारा चौकी ताजी साक्ष दिता. एक पैसोय रीण काडनासतना असली व्होड दाराचौकी फकत तीनच म्हयन्यांत ह्या आवाऱ्यार उबारपाक जाय जाल्यार..."

थंय आयिल्ल्यान कशेंय जरी उलयलें तरी ऐताळ मात ओगीच बशिल्ले. शीनप्पमय्याविशीं कोणय कितेंय उलोवपाक लागले तशे ते दुसरी खंयचीय तरी खबर काडताले. पूण तांगेली नदर मात, तागेल्या घरा दारार, दारा चौकटेर, खांब्यार, तुळयेर बी सतत भोंवत आशिल्ली.

जेवण जालें. बऱ्या चण्यादाळीची पूरण पोळी केल्ली. जाय म्हणटात तितलीं वाडिल्ली. त्या दिसा ऐताळांक अर्द पोळी खातनाच नाका जालें. शीनप्पान हांगेले पान पळोवन "हांगा राम ऐताळांच्या पानार चार पोळी वाडा. आमगेले धनी हे." म्हळें. थंय आशिल्ल्यांनी "अशें कशें?" म्हूण ऐताळांकच टुकूटुकू पळयले. तांगेल्या पानार पुरणपोळी, वयर तूप आनी दूद घालें. पूण त्या दिसा पाव पोळीय ऐताळांच्या गळया सकल देंवली ना.

जेवण जालें आनी त्या दिसा अख्या कोटातल्या सगळया लोकानी शीनप्पमय्याल्या जेवणाची तुस्त केली. आतां मंत्राक्षता दिवपाचो वेळ आयलो. शीनप्पमय्यान मुंज्याक मुखार आपोवन "आमगेल्या चल्याक जप आनी अग्नीहोत्र दोनय शिकोवन बेंगळुरा धाडपाचो विचार आसा. देव ताजें कल्याण करुं म्हूण ब्राह्मणांनी आशीर्वाद दिवचो" अशें मागणें केलें. मुंज्यान थंय आशिल्ल्या वीसेक भटां मुखार वचून वांकून नमस्कार घालो. हें सगळें घडतना ऐताळ ओगीच आशिल्ले हें शीनप्पमय्याक ध्यानांत आयले बगर रावलें ना.

मुंजी जेवण जेवन आयल्या उपरांत जाय ते दीस मेरेन ऐताळाल्या मनाक एक विचार सतायत आशिल्लो, शीनय्याल्या व्हड दारा चौकीचो आनी ताणें घाल्ल्या नळयाचो. शीनमय्यालो गर्व उणो करपाक आपणें माळयेचें घर बांदपाक जाय म्हळळी इत्सा ऐताळांक जाली. शीनमय्या तांगेर पैलेभशेन चड न्हय जालो तरी केन्ना केन्नाय यो वच करत आशिल्लो. आपणें ताका रीण दिवन फकत सच म्हैने जरी जाल्ले तरी तें रीण बेगीन वसूल करून घेवचें अशें तांकां आतां दिसपाक लागलें.

ताणें जशें आशिल्ल्यो नाशिल्ल्यो अडचण्यो सांगून रीण घेतिल्लें तशे तरेन हेंवूय आपणाक ही अडचण आसा, तो त्रास आसा म्हूण ताका सांगपाक लागले. ताजे फाटल्यान "हो बंगलो, व्होड दार, चौकी बी म्हूण व्होडपण दाखयतलो म्हळळें आदीं कळिल्ले जाल्यार हांव असल्याक रीण खंय दिता आशिल्लो?" म्हुणय म्हळें. वाऱ्या वांगडा ही खबर शीनप्पमय्याल्या कानारय पडली. ताणे कोणा कोणा कडेन "ह्या कोडीत बांदले ना तसले नळया घर बांदिल्ले पळोवन ह्या दळदिऱ्या भटाक पोटाक जाळ पडला. बामण जातच तसली!" म्हळें. तशें पळयल्यार तोवय बामणच. पुण ताणे ऐताळाक 'बामण' म्हण्टना त्या उतराचो अर्थ "भटपण करपी बामण" असो जातालो. तें कशेंय जांव, पुण ताणे म्हळळीं हीं खबर गांवातल्या तळटमाडाचे वाऱ्यार उबत ऐताळाल्या कानार आयली. एक दीस ऐताळ रागारागान आंगणात पांय धाडयत आशिल्ले. "सत्या, पळयलें? सोरपाक दूद पिवोवन जाता कितें तें? त्या सुण्याक हांवें रीण दिलें आनी तो म्हण्टा कितें जाणा? तागेले घर पळोवन म्हाका पोटाक जाळ पडले खंय. कितें म्हूण म्हाका समजलां तो? ताज्या बाप्पाय येदे नळयाघर बांदपाची म्हाका ताकत ना तर?" ते रागान थंयथंय नांचले.

ह्या रागान आनी अवतारान रीण दिल्ली खबर सरसोती आनी पारोतीकय कळळी. त्या

दिसा सांजे सत्यभामेकडेन गोड गोड उलोवन सरसोतीन रीण केन्ना दिल्ले, कितले दिल्ले म्हळ्ळे सगळें सविस्तर काडून घेतलें. ती ते समजून घेवन ओगी रावली ना. अण्णाक आयकता अशें आवाजात "पारोती, एकच पोटात जल्माक आयिल्ली भैण पैसल्ली जाली आनी पैर आयिल्ली धाकली बायल लागिची जाली. जायना, वचना आमकां कितें! बायलेन सांगिल्ले आयकून रीण दिलें आसतलें. हांगा सद्दा येवन तिजे "रांदप बरें जाता, आंबट बरे जाता" म्हूण तुस्त गायता न्हय? तुस्त करून करून वैर माळयेर चडोवनय जालें. आतां तसोच देंवयतलो तो" म्हळें.

सरसोतील्या तोंडाक तोंड दिवचे जमना जावन बशिल्ले कडसूनच "कितें? म्हजें पैशें बुडयतलो तो? ब्रह्मलोकात गेलो तरी हांव ताका सोडपाचो ना." ऐताळान गडगडाट केलो.

○

9

शीनप्पमय्या आनी ऐताळ हांचे झगडे व्होडार पावले तशें तांचे उलोवप बंद जायत गेलें. 'दुसऱ्याल्या दुडवांन चौकी आनी मुकाल्लें दार बसयलें' म्हूण ऐताळान म्हळें जाल्यार 'पोटाक खायनासतना पैसो केलो' म्हूण ऐताळा विशीं तो म्हण्टालो. फकत तोंड उतरार आपणे दिल्ल्या दुडवांविशीं ऐताळाक आतां काळजी जावपाक लागली. 'ह्या कार्तिक पुनवेक तरी ताणे रीण पावोवपाक जाय. बेंगळूरात मूट-मूट भर पैसो मेळोवपी चलो आसतना म्हाका पैश्या खातीर नाचयता कित्याक?' म्हूण शीनाक विचारचो निर्णय तांणी घेतलो.

त्या वर्साची कार्तिक पुनवेची परब ऐताळाल्या जीणेत याद दवरपा सारखी जाली. कोडीसाकून धा मैलार कोटेश्वर म्हळ्ळो सांतेगांव आसा. थंय पंचपांडवांनीच बांदिल्ले कोटीलिंगेश्वर देवळ आसा. थंयचे व्होड देवळ, व्होड तळे, व्होड उत्सव- होच गांवकारांचो कार्तिकोत्सव. दोन कारणाक लागून तांका ह्या किर्तिकोत्सवाचे सपन पडपाक लागले. शीनमय्यालो रीणाचो वायदो एक कारण जाल्यार, घरात उप्राशिल्ली दगदग हें दुसरे कारण आशिल्ले.

ऐताळाल्या घरातली खबर समजून घेत तर ही कटकट सुरु जाल्ली खबरय सावकासायेन समजता. पारोतीगेर पोटची भुरगीं नाशिल्ल्यान काय कोण जाणा, सत्यभामेल्या चल्याचेर- लच्चाचेर - सुमाराभायर ती मोग करताली.पुण मनात नासतनाय 'ह्या घरात आपुण सुनीती, सत्यभामा सुरुची' म्हळ्ळीं भावनाय वाडत गेल्लीं. ऐताळान तिका तशें केन्नाय कांयच म्हळें ना हें खरें जरी आसले तरी सत्यभामा घरात आयली तेन्नासाकून तिजेर ओतपी मोग आनी तिका मेळपी मान पळोवन, तो आपण्याविशिंचो अनादर असो दिसून ती चिंतेस्त जाली. तशें पळयत तर पारोतीचे जीणेत कसलें कसलें त्रासाचें दीस आयिल्ले. तांचे मुकार हे कांयच न्हय. तिणे ते चड लावनय घेतलें ना.

लच्चा व्होड जायत आशिल्लो. आतां दोन वर्सां सोंपून तिसरे लागिल्ले. तो हांसतना खेळतना पळोवन, आपुण मरतकच आपणाक सद्गतीक पावोवपाक हो जल्माक आयला म्हळ्ळया विचारान तिका ताजेविशीं आत्मीयताय दिसपाक लागली. आतां ताका पांय आयिल्ले. घरचे रांदचे कूड आनी आंगणा भायर वचनाशिल्ल्या आवय वांगडा रावपाक मन नासतना सदांच शेतात, वेळेर वो शिट्यार अशें घरा भायरच दीस काडपी व्हडल्या आवय फाटल्यान वचपाची ताका इत्सा जाताली. रांदचे वेळार भुरग्याचे त्रास उणे जायत तर बरे न्हय? व्हडली आवय लच्चाक घेवन वचपाक लागल्यार, तो वाटभर 'हांबा कडेन, बूची कडेन, काक्या कडेन, कोक्या कडेन' उलयत वतालो. व्होड आवय जें जें काम करता तें तें एकूय सोडनासतना तोवय करतालो. अशें जाता जाता त्या दोगांचो मोग बरोच वाडलो. न्हावपाक, जेवपाक, न्हिदपाक व्होड आवय लागी ना जायत तर लच्चाक समाधानच जायनाशिल्ले. सुरवेक हें बरें जालें अशें सत्यभामेक जरी दिसलें तरी आपणाचेर आशिल्ल्या मोगा परस लच्चालो मोग व्होड आवयचेर चड आसा अशें दिशिल्ल्या दिसासाकून तिज्या

मनात कांटे तोंपपाक लागले.

व्होड आवयक उदाक पितना एक गोडा कुडको दिल्यार, ती ताजोच एक कुडको चल्याक दिता तें पळोवन, 'ताका पोटात दंत जायत, दात किडत... आदीं उतरांन सत्यभामा आपणालो बेजार उलोवन दाकयताली. आपणाक खावपाक दिल्ल्यातले व्होड आवय लच्चाक दवरपाक लागली जाल्यार 'न्हय ते अडे खाण दिवन म्हज्या चल्याचे पोट इबाडतात' म्हणपाक लागली. चल्याक भायर व्हरता ते पळोवन 'चल्याक वाऱ्यात भोंवंडावन जोर-बीर हाडटली' म्हुणय कुसकुसपाक लागली. एक दीस पारोती लच्चाक घेवन भायर वतना ऐताळानच ''पारोती चल्याक वतात कित्याक व्हरता? वारो बादल्यार...!'' म्हळें. त्या दिसा साकून पारोतीन लच्चाक भायर व्हरचे बंद केलें.

पुण लच्चाक घरची चौकी, रांदपा कुडीचो वाठार मानवलो ना. आवय भितरच काम करत आसतना ताणे कितें करप? तिजे दोळे चुकोवन वांकडी पावलां घालत तो भायर वतालो. 'व्होडाम्मा!' म्हणत रडत तिका आपोवपाक लागतालो.

ते शिंयाचे दीस आशिल्ले. एक दीस सकाळफुडे सरसोती आनी पारोती कुळदाची रोपां हुमटावपाक गेल्ल्यो. दव पडिल्ल्यान वलीं जाल्लीं रोपां त्यो हुमटिताल्यो. सकाळी लच्चा उटलो तेन्ना ताका व्होडाम्मा थंय खंयच दिसलीं ना. 'व्होडाम्मा' म्हूण तो किळांच मारपाक लागलो. सत्यभामेक राग सहन जायना जालो. 'हाका एक, व्होडाम्माचे गिरेच लागला.' तिणे म्हळें. लच्चाक चडच वायट दिसलें. ताजें रडप आनिकूय चड जालें. 'वोगी रावता काय तुजो गळोच बंद करूं?' आवयन गवजी घाली. लच्चान भियेवन तोंड दाबून धल्लें आनी थंयसून भायर आयलो. तेन्नाच पारोती आनी सरसोती एकेक वजें आंगणात उडोवन वचपाक लागिल्लीं. तन्ने हुनत आंगणात नाचताले. लच्चाय आंगणात आयलो. व्होडाम्मा आंगणातल्यान भायर वता ते ताणे पळयले. आवाज करनासतना तिजे फाटल्यान तो चलपाक लागलो. दुसरे वजें पारोती सरसोतील्या मात्यार दिवपा वेळार लच्चा थंय पाविल्लो. 'व्होडाम्मा, म्हाका घेनासतना तूं कित्याक आयली?' ताणे विचाल्ले. 'चोरडां, ह्या दवांत तूं कित्याक आयलो? घरा वचया, चल.' म्हणत ती ताका घेवन वचपाक लागली जाल्यार लच्चा गळो भरडेवन रडपाक लागलो. दुसरो उपाय नाजावन पारोतीन वजे घेवपाचे तशेंच सोडलें आनी लच्चाक घेवन थंयच भोंवपाक लागली. 'व्होडाम्मा, तूं कितें करताली?' लच्चान विचाल्ले. 'कुळदा रोपां हुंमटायतालीं.' तिणे म्हळें. आपुणय रोपां हुंमटायतलो म्हूण तो त्या कामाक लागलो. दीस सोंपलो. सरसोतीन एकट्यानच सगळीं रोपां घरा पावयली. पुण नशिबान म्हण्टात तशें लच्चाले आंग तापले. सांजवेळार आयिल्लो जोर तीन दीस काडनासतना उल्लो. वाऱ्यापीडेचेर उपचार केलो. थंडेचेर वकद जालें. 'सकाळी आपणे थंडेवाऱ्यात चोरडाक शेतात कित्याक फिरयले' म्हूण पारोती भितल्ले भितर अखंदेत रावली. ह्या जोराक लागून आपणाल्या सवतेक सत्यभामा मनात येता ते उलयली. व्होडान उलोवपाचे धैर्य जरी जालें ना तरी तिज्या कानार पडचें अशें तरेन ती फुतफुतली. जोर चडिल्ल्या वेळार भुरगो 'व्होडाम्मा खंय?' म्हूण परवतालो. पुण आवयचे नांव मात घेनाशिल्लो.

ऐताळ भटपण करपाक पैसल्ल्या उदेंतेच्या गांवात गेल्ले. तीन दिसा उपरांत आपण्याले काम सोंपोवन येतना देणप्यार पांय दवरतनाच तांणी 'लच्चण्णा' म्हूण उलो माल्लो. 'बाप्पा'

म्हूण परती जाप दिवपी आवाज आयलो ना. 'छे, नाका म्हळे आसतना शेतार व्हेले आसतले ताका.' अशें म्हणत ते घरा भितर आयले. पळय जाल्यार सत्यभामा दोळयांत उदाक काडत चौकेर बशिल्ली. ऐताळांचो आवाज आयकलो मात तिज्या दोळयांतल्यान उदका धारच ओतपाक लागली. 'कितें? कितें जालें?' ऐताळान सत्याक विचाल्ले. 'चलो न्हिदला. आंगार जोर खतखत्ता, तीन दीस जालें. कोणाले भुरगे गेल्यार कोणाक पडलां?' तिणे वेगळ्याच तरेन जाप दिली.

ऐताळ बेग्याबेगीन भितल्ल्या सालात गेले. लद्या न्हिदून पडिल्लो. ताजे आंग हुमेल्लें. हेंवटेन पारोती बशिल्ली आनी तेवटेन सरसोती आशिल्ली. भावाक पळोवन सरसोतीन 'आतां हूंम आयली. जोर देंवलो असो दिसता.' अशें म्हणत ताजे आंग पोरशिलें. भुरगो जागो जालो. मुकार बाप्पूय उबो आशिल्लो पळोवन 'बाप्पा' म्हळें. ऐताळाक सूऽऽ जालें. ताजे आंग तांणी सावकास पोरशिले. 'सरसोती, ही हूम पुसून काड आनी आंगार पांगरूण घाल' म्हळें. 'चलो चारातलो तीन वांट्यान जालो.'' म्हणत भैणीन तीन दीस मेरेन आयिल्ल्या जोराची खबर सांगली. ऐताळान थंय आपणाले लक्ष ना अशें दाकयले. 'कितेंय जांव एकशें आठ गायत्री जपता.' म्हणत आपणाले आंगाचे बदलावन संध्या वंदना सोंपोवन, देवा मुकार ते बसले. 'सत्या लद्याक हांगा घेवन यो.' म्हळें. तिणे चल्याक हाडल्या उपरांत ताका आपणाल्या पद्मासन घाल्ल्या मांडेर न्हिदोवन घेवन एका फाटल्यान एक फाल्गुणाल्या बाणा भशेन गायत्री मंत्र सोडले. उपरांत इल्ली विभूती हाडपाक सांगून, ती मंत्रोवन '-हां-ही-हूं' करत ताज्या कपलाक लावन, तोंडातय चिमटीभर घाली. उपरांत 'सत्या, चल्याक पाळण्यात घाल.' म्हूण हुकूम केलो. तेन्ना सत्यभामा भितर शीत वाळटाली. ते काम तितल्यारच सोडपाचे साध्य ना म्हूण तीणे 'शीत वाळटा' म्हळें. थंयच उबी आशिल्ली पारोती धांवत आयली आनी 'हांव न्हिदयता.' म्हळें- 'सत्या म्हळयार तूं?' म्हळीं उतरां तांच्या तोंडातल्यान भायर सर्ल्लीं. पारोतीक जोगूल पडता काय दिसलें.

ती थंय रावपाक जायना जावन गोट्यात गेलीं. गोरवांक खावड आनी निवळ दिवन, दूद काडपाक बसली जाल्यार थरथरपी हाताक लागून दुदा धार तांब्यात पडना जाली. तिजे हात तितले थारना जावन थरथरताले. ती हुंदकेत, गोट्यातल्यान घरा, घरातल्यान देवाकुडीत भोंवता तें पळोवन सरसोतीन तिजे काम आपणेच केलें. सरसोतीन तिका जेवपाक आपयले. 'कित्याक गोबराक जेवप हांवें' तिणे अखंदेवन म्हळें.

सरसोतीन आग्रह केलो. पारोतीन कशेंय तरी जेवणाचे शास्त्र केलें. जेवन आयदना धुवपाक तळयार व्हरता म्हळयार हात थरयल्लो आनी आयदन ढण्ण करून आंगणात पडले. तिजे फाटल्यान सरसोतीय आशिल्ली. सकल पडिल्ले आयदन घेवन सरसोतीनच धुयले. 'तूं अशें कितें करता, पारोती?' तिणे विचाल्ले. पारोती घोऽऽ करत खोळशेवन रडपाक लागली. 'हांव एक पूतनी- म्हाका लागून कोणा कोणाल्या भुरग्यांचेर संकट येतले कोण जाणा!' म्हळें.

'कोणे तुका तशें म्हळें? तिणे? म्हणूं- तिजे तूं कित्याक मनाक लावन घेता?''

'तिणेय म्हळें, हांणीय म्हळें.' 'सत्या म्हळयार तूं?' म्हळें म्हाका, हांव लद्याक न्हिदोवया म्हूण गेल्याक. पारोतीन घडिल्ली खबर सांगली.

दोगांय उलयतना सत्यभामा जेवण सोंपोवन थंय आयली. आपण्याली खबर उलयतात

म्हूण कळतकच आयकुपाचे तितले आयकून, खांकत तळयेर गेली. तांचो आवाज बंद जालो सो पळोवन ती ताट धुवन घरा गेली.

रातीची उरिल्ली कामा बेग्याबेगीन सोंपोवन सत्यभामा ऐताळा म्हन्यात वचून दोळयात उदाक काडत, ''हांवें इल्ले किंतें म्हळळें ताजे तांणी रामायण केलें. चल्याक सकाळ फुडे शेतात थंडे वाऱ्यात व्हरचे व्हेलें आनी हांवें रावपाक जायना जावन 'कोणा भुरगो गेल्यार कोणाक पडला?' म्हळयार दोगांय म्हजेर शीणतात.'' अशें म्हणत तिणे आनेक झगड्याक मुळावण घाली. इतल्यात लच्चान 'होडाम्मा' म्हूण उलो माल्लो. ताजो उलो सगळयांक आयकलो. 'ताणे आपल्याकच कित्याक आपोवपाक जाय?' म्हूण पारोतीन जरी म्हळें तरी तिजे पांय थांबले नात. ती चोरडा कडेन धांवन आयली. पैली सत्यभामा थंय पावली. ते पळोवन पारोती फाटल्यान सल्ली. 'किंतें जाय?' म्हूण आवयन विचाल्ले. 'हांव होडाम्माल्या पांयार न्हिदता.' लच्चान जाप दिली.

''पाळण्यात न्हिदोवन हांवें हालयल्यार जावचे ना?'' आवयन विचाल्ले.

लच्चा रडपाक लागलो. आवयक कांयच सुचना जावन 'आका, चोरडाक मातशी न्हिदोवश्यात?' म्हळें. पारोतीले तोंड लाशिल्ल्या वांयंगणा भशेन जालें. तिका वायट दिसलें. लच्चा उटलो आनी व्होडाम्मा कडेन येवपाक लागलो. निमणे दुसरो उपाय नासतना पारोतीन ताका घेवन पांयार घालो आनी वंटीक तेंकून बसली. त्या दिसा ती रडली तशीं केन्नाच रडली नाशिल्ली. सत्यभामेक थंय रावपाक मन जालें ना. ती थंयसून ऐताळ बशिल्ले कडेन गेली. ''जल्माक घालपाक हांव आनी सांबाळ करपाक ती!'' म्हणत तिणे आपणाले मनांतले भायर घालें. ''सत्या, चोरडांक किंतें कळटा? तूं असल्या ल्हान-सान कारणा खातीर रडत रावल्यार हावें करचे किंतें? तुमच्या दोगांमदें हांवें हांगा रावपाक जाय काय खंय तरी वचपाक जाय?'' ऐताळान म्हळें. खरें म्हळयार तांका तशेंच जाल्ले. भैण घरा नाशिल्ली जाल्यार सत्यभामेल्या सगळया कागाळयांचो निर्णय तिका जाय तसोच लागतलो आशिल्लो. पुण ऐताळांक भैणीचो धाक पूर्णतायेन गेलो नाशिल्लो.

देवादयेन त्या रातीच चल्यालो जोर देंवलो. तीन-चार दिसात लच्चा हांगा थंय भोंवपाक लागलो. ताजे तोंडात मात सदांच व्होडाम्माचो जप चलतालो.

हें सगळें घडले उपरांत, सत्यभामा आनी पारोती हांचेमदीं दुस्मानकाय न्हय जाली तरी वेगळेचार निर्माण जालो. दिसाक धा परस चड न्हय, तिनापरस उणे न्हय इतलींच तांची उलोवणी जातालीं. सामकीच गरज आसत तरच उलोवप. शिंया दीस सोंपून, गिमाळो, पावसाळो सोंपता म्हणसर पारोतीचेलो लच्चालो मोग जे प्रमाणात वाडत गेलो त्या प्रमाणात सवती मदलो मत्सरय वाडत गेलो. आतां लच्चाक तीन वर्सां जावन चार म्हैने सोंपल्यात. कोटेश्वराची जात्रा लागी पावल्या. त्या जात्रेत वस्त्रां काडपाचो ऐताळांचो नेम आशिल्लो. वर्साक जाय जाल्लीं वस्त्रां तेन्नाच ते घेताले. त्या उपरांत गांवांत जावपी जात्रेंक नवें न्हेंसून वचापक बरे जाता म्हूण तशीं पद्धत ताणी दवरिल्ली.

त्या गांवांनी प्रसिद्ध आशिल्ली कोटेश्वर जात्रा सत्यभामेन पळोवंक नाशिल्ली. ह्या वर्सा ती पळोवपाची इत्सा तिका जाली. पुण चड्याक घेवन आंठ-धा मैल चलपाचे धैर्य तिज्यात नाशिल्ले. हें वटेन जात्रा पळयनासतना रावपाकय मन तयार जायना जालें. जात्रेक पंद्रा दीस आसतनाच 'ह्या वर्सा कार्तिक पुनवे जात्रेक वचून आयल्यार जाताले' अशें तिणे

म्हणपाक सुरवात केली. ऐताळ तिजे मन कशें मोडतीत? वचपाचें आसल्यार बेगीन कापडा बी घेवपाक जाय म्हूण तांणी थारायले.

जात्रेक तीन दीस आसतना ऐताळांनी मांडार वचून जवळी हाडली. आपणे न्हेसपाक दोन वाले, सरसोतीक तांबड्या रंगा देग आशिल्लीं दोन कापडां, पारोतीक धवे देगेचीं दोन पाल्घाट कापडां, लच्चा खातीर बुगडी देगेचे आंगले इतले घेतले. 'सत्यभामेक कितें घेवंया?' असो विचार करत सगळे मांड आठ-धा पटी ते भोंवले. पाल्घाट कापड तिका घेवप तांका मनात नाशिल्ले. इळकल कापडाक मोल चड. येवजून-येवजून निमणे, 'सदां न्हेसपाक पाल्घाट कापड पुरो. भायर वतना कोर्नाड कापड आसूं अशें थारायलें. पुण ताजे मोल खूबच चड अशें दिसलें. निमणे कुमारपाळयाचे रुद्राक्षी देगेचे कापड ताणी घेतले.

जात्रेचो दीस आयलो. एकट्याक घरा दवरप आनी हेरांनी जात्रेक वचप अशें जावंक जायना. सरसोती सक्काळ फुडें उठली आनी तिणे निवळ शिजोवन सूराल्या बायलेक गोरवांची उसाबर करपाक सांगलें. इतले केल्या उपरांतय 'छे, घर सोडून सगळयांनी वचप समा न्हय.'' म्हूण आपुण घर राकपाक रावली. सक्काळ फुडें ती सोडून हेर सगळीं जात्रेक वचपाक भायर सल्लीं. दर्या वेळे वैल्यान चलपाक लागली. लच्चा सत्यभामेल्या खांद्यावेल्यान बापायच्या खांद्यार, बापायच्या खांद्यावैल्यान व्होडाम्माल्या खांद्यार करत वचपाक लागलो. चल्याक घेत, देंवयत सगळे जाण कोटेश्वराक पावमेरेन सूर्य वैर पाविल्लो. थंयचे व्हड तळे पळोवन लच्चा खुशालभरीत जालो. तळयेतले मानगे पळोवन 'हांगाच पळयत रावंया,' म्हूण हट्ट घेवन बसलो.

सगळयांचे तळयेत न्हाण जालें. देवळात नाल्ल, फळाची भेट जाली. देवाचो रथोत्सव पळयलो. त्या लोकांच्या गच्चीत धुसून मुकार वचत जात्रेक आयिल्ले मांडे पळयत मणियाराकडसून एक बावलेय घेतले. सूर्य मात्यार आयलो म्हण्टकर जायत्या जाणांक देवळातल्या समराद्राची याद जाली. तळये वाठारातच ऐताळालो इश्ट रावतालो. तांगेर सगळे जाण जेवपाक गेले. उत्सवा दीसा तांगतांगेल्या सोयऱ्यांगेर सगळयांनी पावपाचो दीस. तेन्ना सोयऱ्यागेरचे जेवणय समराद्राचे जेवण जाता.

सगळे जेवपाक बशिल्ले आसतना वळखीचे बायलेन पारोती कडेन कुशीक बशिल्ले सत्यभामे विशीं विचारलें. 'तीय म्हज्या घरकाराची बायल.' पारोतीन सांगलें. तिजी नदर सत्यभामेल्या कापडार गेली. तिणें ल्हवूच पारोतील्या काना कडेन 'हें कितें, तुमी पाल्घाट कापड न्हेसल्यात. तिका रुद्राक्षी देगेचें कापड!' म्हळें. 'खंचेय न्हेसले म्हूण कितें, सगळें एकच न्हय?' पारोतीन विरक्त भावनेन म्हळें. आपणाक लक्षात आयलो नाशिल्लो कापडांतलो फरक ते बायलेन दाकोवन दितकच तिका वायट दिसलें- धाकटे परस आपुण घोवाचे नदरेत उणाक म्हळळें तिका ध्यानांत आयलें.

दनपारचे जेवण सोपोवन ते सगळे परतून जात्रेत भोंवले. सत्यभामेन सांगतकच ऐताळान चल्याक बतास, चणे, चिरमुरे घेतले. नवी मडकी घेवन तातूंत ते सगळे घाले. आपणाक घोवान दिल्ल्या अर्द आण्याचे कितें घेवचे म्हूण पारोतीन विचार करत निमणे लच्चाक खाजूर घेवन पोटलेत दवल्लो.

वेळ वैर आसतनाच ऐताळाले जात्रेचे दिबण शेतां माडयत अस्तमतेचे दर्या वेळेर पावले. सगळे वेळेवेले रेंवेतल्यान दक्षिणेक चलपाक लागले. लच्चाक पुरो जावन न्हीद आयिल्ली.

जागो आसतना परस न्हिदेत लच्चा दुपटीन जड लागतालो. ताका सांबाळपाक जायना जावन सत्यभामेन 'ह्या रेंवेतल्यान वत मात्यार घेत वचचे परस सारख्या वाटेवेल्यान गेल्यार बरें आशिल्ले.' म्हळें. "त्या वाटेर भश्टेपण चलता. वाटभर सुदीर पोरांचे पोंजे भोंवतात. जात्रे वेळार तांका दोळेय दिसनात. हांगा दर्यावेळेर कोणाचीच कटकट ना." ऐताळान जाप दिली. पुताक व्हरपाक जायना जावन तिणे तशें म्हळळें हें ऐताळांक लक्षांत आयलें ना.

पारोतीन सत्याचे वांवट पळोवन, "चोरडाक दी. एकटीच कितली म्हूण व्हांवयतली" म्हळें. तो भार कोणेय घेतल्यार पुरो अशें सत्यभामेक जाल्ले. पारोतीन त्रास जाता आसतनाय ताका व्हांवयले. चार पांच मैल आयल्या उपरांत ताका जाग आयली. तेन्ना ताका दर्या दाकयत, मदें मदें चलयत, खेळयत घरा हाडले. पुनवेचंद्र तांच्या पोरसातल्या माडा तोंकार पाव मेरेन ते घरा पाविल्ले.

घरा रातीचे जेवण तांची वाट पळयताले. जात्रेतले भश्टल्ले वस्त्र धुवन सगळे जाण जेवपाक बसले. सरसोतीन उडीद ना म्हूण कुळीद वाटून उमेदीन गोडशे तयार केल्ले. सगळे जाण पोटभरून जेवले. राती जेवण जातकर पारोतीन सरसोतीक जात्रेत कितें कितें घडलें तें सांगले. रुद्राक्षे देगे कापडाची खबर सांगून तिणे दोळयांत उदाक काडलें.

ऐताळ कोटेश्वर जात्रेक वचून आयले खरे, पुण तांचो जीव सगळो शीनय्या कडेनच ओडटालो. ताज्या दुडवाची मुदत सोंपल्या त्या दीसच ताणे ते हाडपाक जाय आशिल्ले. आज आपुण घरात नाशिल्लो हें ताका बरे जालें.राती तागेर वचपाचो विचार आयलो. उटून देणप्या कडेन पावता म्हणसर सरसोती तांचे कडेन उलयत रावली. उत्सवा विशीं एकेक विचाल्ले. निमणे रुद्राक्षे देगे कापडा खबरय काडली. तेन्ना ऐताळांचे मन कलकल्ले भशेन जाले. ते बेजारान, "खंयच्याय कामाक वचपाचे ना. न्हय ते पाडे कितें तरी उलयतात." म्हूण घरा चौकेर आयले. रातभर मांद्रेर लोळळे. न्हिदेत शीनमय्यान आपणाली गांठ बुडयली अशें तांका सपन पडलें.

सकाळ जातकच ते थांबतात? बेग्याबेगीन उदकात बुडकी घाली आनी शिट्या वेल्यान ते तांगेर धांवले. ते त्या वाटेन गेले जाल्यार शीनाली स्वारी शेता वाटेन हांगेर येताली. शीनमय्या ताज्या घरात दिसलो ना. ऐताळान ताज्या बायलेकडेन 'शीना खंय?' म्हूण विचाल्ले. तिणे जापे बदला एक रामायणच सांगले. हांच्या रीणाचे वायद्याक भिवन, शिनमय्या गांवभर भोंविल्ले. निमाणे बेंगळूर साकून व्हड पूत नरसिंहान उश्णे घेवन सुमार पन्नास रुपय मनिऑर्डरीन धाडिल्ले. अशें तशें करत कळंतर आनी रीणाचे दुडु एकठांय करून ते कार्तिक पुनवे उत्सवाचे वायद्याक दिवपाक म्हूण गेल्यार ऐताळच घरात नात. हें सगळें रंगोवन तिणे सांगलें. तें सगळें आयकुवपाची फुरसद ऐताळांक खंय आसा? ते धांवतच परते घरा वचपाक लागले. मदें शेतातच ऐताळ आनी शीनमय्या मेळळे. सीनान तांचे हातात दुडु दवरत, 'हय मूं, तुमकां शीनाचेर भरवसो नासत. हांव गांठ बुडयतलो म्हण्टाले जांवये. आतां पावले तुमकां कळंतरा सैत. तुमची कागाळ नाका, तुमचें रीणय नाका.' म्हळें आनी तो चलपाकच लागलो. ऐताळांचे लक्ष सगळे पैश्याकडेन! दर एक रुपय आनी नोट पळोवन तपासून, मेजून किरवटीक खोवन वैर पळय जाल्यार शीनप्पा नाशिल्लो. दुडू कशेंय आयले. शीनप्पाले प्रामाणिकपण पळोवन ताका खोसय जाली. आपणे ह्या थोड्या पैश्या खातीरय ताजेर भरवसो दवल्लो ना म्हूण तांका लजय जाली. "रागार

जावनाका सायबा, तापत्रय चड जाल्ल्या वेळार न्हय ते उलयलो जातलो. तेंच व्होड करनाका.'' म्हूण म्हणया म्हळयार तो थंयसून गेल्लो. ते नीट घरा गेले. घराच्या वंटीच्या एका बोल्यांत तांणी सगळीं नाणीं भल्लीं. नोटां सगळीं एका करंड्यात घालीं आनी करंडोय थंयच दवल्लो. संवये प्रमाणे हेंवटेन तेंवटेन पळोवन थंय कोणूय ना हाजी खात्री करून भायर सल्ले. तांचो खजानो खंय आसा वो तांचे कडेन कितले पैशे आसा म्हळळी कसलीय खबर पारोतीक नाशिल्ली. इतलेंच कित्याक, तांच्या पांटाराणयेकय खबर नाशिल्ली. जाय ते फावटी खुशालभरीत जाल्ल्या वेळार ते सत्यभामेक सांगपाक जाय अशें तांका दिशिल्ले. पुण 'बायला बुद्द धोंपरां मेरेन' ह्या सिद्धांताक ते शरण गेल्ले आनी ओगी राविल्ले.

आतां हांसत भायर सरपा वेळार परती सरसोती मेळळी. ''कितें शिनागेर गेल्लो न्हय? दुडु मेळळे काय ना?'' म्हूण विचारिल्ल्याक, 'दिनासतना खंय वतलो? खाल्यार ताका तशें सोडन काय कितें!'' व्होडपणांत ताणी म्हळें. सरसोतीन, ''पळय, वगीच कोणा कोणाकडेन ताजे विशीं 'गांठ बुडयली' म्हूण उलोवन गरज नासतना वायटपण घेतलें न्हय'' म्हळें.

ऐताळ वेल्याचाराक सरसोतीचे उलोवण्याकडेन लक्ष ना अशें दाकोवन जरी गेले तरी तांचे मन भितल्ले भितर कश्टेत आशिल्ले. हाका लागून रेंवे दोंगर माडयत ते शीनय्याल्या घराकडेन परतून गेले. थंय तो आंगणात बसून माडा चुट्टा विणटालो. हांका पळयल्या बरोबर मातसो कांचवेवन ''खंय तरी हिशोब चुकलो काय कितें? तातूंत खोटो रुपय बी आयला?'' म्हूण विचाल्ले. ऐताळान, ''कित्याक सायबा रागार जाता? उलोवची न्हय तसली चार उतरां हांव चुकून केन्ना तरी उलयलो आसन. ते तूंवय उलयलो, हांवय उलयलो जायत. आनी अशें घडचें नाका. सगळे आमी विसरया. इतले तुका सांगपाक जाय अशें चिंतता म्हणसर तूं नाच जालो. तुका येवन सांग मेरेन म्हजें मन भितल्ले भितर खोचताले.'' म्हणत आपणाले मन तांणी उकतें केल्लें पळोवन, त्या खिणाक तोवूय समाधानी दिसलो. ''भोंगू तें ऐताळांनूं, घडचे तें घडलें आनी सोंपचे तें सोंपले'' म्हणत ताणे ती खबर थंयच सोडली आनी गांवची गजालीं उलोवपाक लागलो. कोटेश्वरची जात्रा, थंय घांटवेल्यान आयिल्ले गोडश्याचे मांड, जात्रेक आयिल्ले लोक, त्या कार्तिक म्हैन्यातच खंच्या तरी गांवातल्यान आमले तोरां हाडून रथाक बांदिल्ली अजापाची खबर हें सगळे सावकाशायेन ते उलयत बसलें.

* * * *

त्या दिसा पुरते दोगांतय बरेंपण उल्लें. जाय ते दीस मेरेन दोगांनय एकामेका विशीं चड आदरभाव जरी दाकयलो ना तरी अनादर वो दुस्वासपणाचे प्रदर्शन करपाक मात तांचे मन तयार जालें ना. पुण ऐताळाल्या मनात मुकाल्ले देल्ला विशींचो ध्यास उणो जालो ना. तो उणो जावपाचोय नाशिल्लो. शीनान मुकाल्ले दार बांदले त्या दिसासाकून तो शीनप्पमय्या जाल्लो आनी ताका गांवात चार जाणांचे नमस्कार मेळपाक लागिल्ले. 'आपुण सामकोच बाबत मनीस न्हय' म्हुण ताका आतां दिसपाक लागला. हाका लागून ऐताळांचो भितल्लो दुस्वास चाळवलो. 'पोटभर जेवल्यार वर्साचे उत्पन्न स म्हैनेय खावपाक पुरो जाय नाशिल्लो शीनमय्या एक वजनदार मनीस जालो न्हय, आमच्या कोडी, कन्याण गांवात! आपुण, कोदंड ऐताळालो चलो, उदार हातान खर्च करनासतना राविल्ल्यान फकत भटमामच उल्लो

अशें तांका दिसले. "ताज्या मुकाल्ल्या देल्ला परस व्हड माळये घर कित्याक काडचें न्हय?' म्हुणय दिसले. पुण तशें करपाक मन तयार जालें ना. वंटी बुराकातल्या पैश्याक हात घाल्यार ते साध्य आशिल्ले. पुण घरात ह्या नव्या येवजणेची खबर कशीं काडप म्हळ्ळो म्हत्वाचो प्रश्न आशिल्लो. सत्यभामेक सांगल्यार आयकल्या बराबर ती खोशयेन नाचतली! व्हडाली चली ती. पारोती "म्हाका तातले कितें कळटा म्हूण विचारतात" अशें बापडी जावन म्हण्टली. तिका असल्यो गजाल्यो कळपाची तांकय ना. पुण ही गजाल भैणी कडेन सांगप जायना, सांगनासतना रावपाकय जायना. सांगल्यार "तुका पैसो चड जाल्यार व्हर आनी न्हंये तोंडात उडोवन यो. आतां आसा ते घर इतल्या लोकांक पुरो जायना?" म्हण्टली. सांगनासतना ह्या कामाक लागल्यार भीड-मुर्वत नासतना घर सोडटली. तशें तिणे घर सोडल्यार तिजे वाट्याचे पोटाखातीर येवपी तांदूळ बंद जालेच म्हणचे. सरसोतीचो आदार मेळिल्ल्यान घरचे शेता काम बी जाता तेंवय बंद पडतलें.

म्हैने-म्हैने सोंपले तरी हो विचार तांच्या तकलेक बेजार दीत आशिल्लो. पुण धिटायेन निर्णय घेवप तांका जमलें ना. ह्या वेळार घरात म्हत्वाचो असो दुसरो एक प्रश्नय उबो जालो. सत्यभामेन आवय जावपाची परतून तयारी चलयली. म्हैने जायत आयिल्ले. हें बाळांतपण खंय करचें म्हळ्ळो प्रश्न आशिल्लो. "कित्याक ह्या पटीय पडुमुन्नूराक धाडप? हांगा आमी दोगांय नात?" सरसोतीन म्हळें. पारोतीन नंडेकडन "तींच कितें ते ठरोवूं. फाल्या हें सारके जालें ना, तें सारके जालें ना म्हळ्यार त्रास जातलो.' म्हूण आपणे आंग बाजून काडलें. पडुमुन्नूरच्या मादप्पय्य मावान, तीन तीन पटी पुताक धाडलें आनी "आमचे सत्य हांगाच बाळांतपणाक येवंदी. कितेंय म्हळें तरी कुळारा जाता तितले बाळांतपण खंयच बरें जायना." अशें म्हूण पडमुन्नूराक व्हरची इत्सा दाकयिल्ली. ऐताळ मावागेर गेल्ल्या वेळारय हीं उलोवणी जाल्लीं. तेन्ना ऐताळान भिडेक लागून, "मावागेरच्यांक कितले त्रास दिवप?" म्हळ्ळयाक मादप्पय्यान 'तुमकां पिशें! म्हाका आठ भैणी. आतां तांतली कितलीं आसात ताका म्हत्व ना. पुण तीं आसतना तांचे बाळांतपण आमगेरच जाल्लें. आमगेल्या आवयन बाळांत्रो करपाक धुवेंक जांवया कडेन केन्नाच सोडले ना.' म्हळे. ऐताळांन 'जायत, पळोवया.' म्हूण घरा येवन सत्यभामेकडेन म्हळें जाल्यार तिणे कुळारा वचपाचेच बरें म्हळें.

ऐताळान पंचांग उगडलें. गिरे, दीस बी पळोवन बऱ्या म्हुर्ताचेर बायलेक घेवन पडुमुन्नूराक ते गेले. तेन्ना लच्चाक चार वर्सां जावन गेल्लीं. पोपटा भशेन तो उलयतालो. ताणे कितें करप म्हळ्ळो विचार निमाण्या वेळार करचो पडलो. 'आवयक बाळांत्र्या वेळार दोन भुरग्यांचो त्रास जातलो.' म्हूण बापायक दिसलें. 'हांगा आसल्यार बरें'अशें सरसोतीचे मनात आशिल्ले. "आमकां कित्याक ताजी जापसालदारकी?" म्हळ्ळो पारोतीचो विचार आशिल्लो. ह्या सगळ्या अर्दवट विचारा मजगती सत्यभामेन "म्हजो भुरगो म्हाका जड न्हय." म्हूण वैतागान म्हळें. कुळारा वचपावेळार लच्चा "हांव आज्यागेर वता" म्हूण सगळ्यांक सांगत उमेदीन गेलो.

सगळे पडुमुन्नूराक पावले. तांका जाय तसो आदर सत्कार जालो. ऐताळ थंय दनपारचे जेवले आनी येवपाक भायर सल्ले. "लच्चण्ण, आवय वांगडा राव. आजो आसा, सदां काजुबी खावपाक दितलो, गोड दितलो," म्हूण सांगपाक गेल्यार तांचे फाटोफाट लच्चण्णाय येवपाक लागलो. "म्हाका गोडय नाका, बियोय नाकात." ताणें म्हळें.

"आनी कितें जाय?"

"व्होडाम्मा."

जालें, ऐताळाक उपाय ना जालो. ताजो हट्ट चडच जालो. कांय अंतर ताका चलयत, कांय अंतर खांधार ताका घेत, ताजे ‌‌ंगडा ते घरावाटेन चलपाक लागले. ताका फाटीर घेवन घरा पावपा वेळार तो फाटेर सुस्त न्हीद काडटालो. त्या राती साकून परतून सत्यभामा घरा पावमेरेन व्होडाम्माक सांबाळपाक पोवनाचे तपले मेळिल्ले भशेन जाल्ले. लच्चण्ण म्हळयार पोवनाचे तपलेच. लच्चण्णाक व्होडाम्मार उपाट मोग आशिल्लो खरो, पुण व्होडाम्माचे मनात मात सवतीविशीं तितलेंच भंय आशिल्ले. ती घरा आयल्या उपरांत दोगां मदलो मोग पळोवन कितलीं रागार जातली कोण जाणा, ताका लागून घरात झगडीं कितलीं जायत कोण जाणा म्हूण तिका चड भिरांत दिसताली.

मकर संक्रांत जावन पंद्रा दिसा भितर पडुमुन्नूरसाकून ऐताळांक एक बरी खबर आयली. पुनवे दिसा सत्यभामा आनेक चोरडाची आवय जाल्ली. हे पटी चली जाल्ली. ऐताळान आपणे आयकल्ली बरी खभर घरच्यांक सांगपाक म्हूण लच्याक आपोवन "लच्या तुका एक भैण जाल्या खंय, इल्लीशी सान भैण!" म्हळें.

लच्यान "म्हाका भैण नाका, कांय नाका. म्हाका व्होडाम्मा मात जाय." म्हळें. व्होडाम्मान लच्याले लक्ष परतून भैणी कडेन वोडले. 'तशें न्हय चेरडां, सोबीत ‌‌ग घरात आयल्यार तुका खेळपाक जाली न्हय? आंगणात बसून दोगांकय ताबुलफळ‌‌ खेळपाक जातले." म्हळें. लच्याक ताबुलफळयाची याद केल्या बराबर "व्होडाम्मा, आतांच ताबुल खेळयां. ताबलां आनी फळे हाड." म्हणपाक लागलो. ताज्या आग्रहाक लागून तिणें फळें आनी ताबलां हाडटकीर खेळ सुरू जालो. कांय वेळान तिजो रांदपाचो वेळ जालो. 'हांवें रांदपाचें नाका? जेवन मागीर परतून खेळयां.' म्हळें.

"हांव एकटोच बसून खेळटां."

"हाकाच लागून म्हळ्ळें, हांव नासतना भयण आनी तुवें मेळन खेळचें म्हूण."

"भयण म्हळयार कितें, व्होडाम्मा?"

व्होडाम्मा फकत हांसली.

○

10

हांगा ऐताळांचें नळया घराचें पिशें गेलेंच ना. पूण त्या कामाक हात घालपाक धैर्य जाय नासतना ते ओगी आशिल्ले. आपणें तशे तरेचें एक घर बांदलेंच जाल्यार शीनमय्य, "आपणावेल्या पोटाजाळाक लागूनच ह्या ऐताळाल्या पोरान नळयाचें घर बांदलें" म्हूण म्हळे शिवाय रावपाचो ना म्हूण तांकां दिसतालें. शीनाल्या दोळयांत भरसारके आपूण दुसरें खंयचेंय तरी अपूर्व अशें काम करतलों म्हूण तांणी विचार केलो. पाटावेल्या ताच्या माडा भाटाक तेंकून ऐतू पूजारीलें माडाचें भाट आशिल्लें. फकत शंभरेक माड आशिल्ल्या हांच्या भाटामुखार तें नंदनवना भशेन दिसपी भाट. हाता इतल्यारच पेंडी लगता इतले ल्हान माड आसात. फाटीं एक फावटीं ऐताळाली नदर ताजेर पडिल्ली. ऐतू पुजारी दुडवां गरजेक लागून तांचे कडेन येवन, "भाटकारा, हें भाट विकतें जाल्यार विकते, घाणाक जाल्यार घाणाक घेवन म्हाका एक पांयशीं रुपया दियात." म्हळें. तेन्ना ऐताळांक धैर्य जालें ना. आपणाल्या लग्ना वर्सा भाटा कुडको हुंवाऱ्या उदकान व्हांवन गेल्ल्याची तांकां याद आशिल्ली. त्या उपरांत कांय वसा मेरेन न्हंयेचें तोंड, भाटा कडसून लागसाराकच आसतालें. आतां तशें उरलें ना. ह्या पंदरा वर्सांसाकून दर वर्सा पाट्याचे उत्तरे दिकान शंबरेक वांव रेंवेचो शिटो जाल्ल्यान पाट्याचो राग सगळो दक्षिण देगेर गेल्लो. हाका लागून ताजें भाट घेतल्यार आनेक पन्नास वर्सां तरी न्हंयेक लागून अडचण जावची ना अशें तांकां दिसलें. शिवाय पुजारीन भाटा भोंवतणी फातरान दुरीग बांदिल्लें. ऐताळाक ताजेकडेन उलोवन पळोवचें अशें दिसलें.

दिसानदीस रिणांत बुडत वचपी ऐतू एक दीस ऐताळागेर पावलो. तो सकाळचो वेळ. ऐतुलो व्हड देह आपले परस दोडटी सावळी आवाऱ्यार घालत येतालो. ती चुकोवन घेवन ऐताळ ताजे कडसून जाता तितले पैस रावन, "पुजारी, तुवें भाट निमाणें कोणाक दिलें?" म्हूण विचारलें.

"रायानूं, बरें गिरायक नासत तर कोणाक दितलों? शीनमय्यान पळोवंया म्हळां."

"शीनमय्या कडेन तें घेवपाक-जाता तितले दुडू खंयसून येतले? फकत तोंडा फटाशी मारली आसतली."

'रायानूं, आतां तांचे दोग चेडे बेंगळुरांत आसात. तांच्या मेवण्यान आनी तांणी मेळन स्वताचें एक चा दुकान उगडलां. बरी येणावळ आसा खंय.'

ऐताळांचें मन मात हाल्लें आनी ते मुखाल्ल्या शिट्यावेले गुंडे मेजपाक लागलें. कारण मय्याल्या चल्यांनी स्वताचें चा दुकान घाल्ली खबर तांकां नवी आशिल्ली. ते दुकानांत काम करताले इतलेंच ते जाणा आशिल्ले.

'तरीकूय चारशीं रुपयां परस चड जाल्यार आपणाक नाका म्हणटात. तशें दिल्यार माडाक चार रुपया प्रमाणेंय पडनात. दोन वर्सांचे नाल्लच विकल्यार तितले मेळटले.'

“तितल्या पैश्याक दिवपाचो तुजो विचार आसा?”

“दिवपाचे म्हळयार कशें रायानूं? दोनश्यां परस चड माड आसात. दर वर्साक केदोय दुकळ आयलो तरी एका माडाक नाल्लच दीड-दोनशीं जातात. सूर काडपाक माड दिले तरी म्हाका दुडू मेळटले. तातुंतल्या धा माडांक नंबर घाल्यात; कांय ना म्हळयार चाळीस रुपया सुट्टात.”

“हां, म्हळयार तुजी नदर माडा तेंगशेरच आसा अशी दिसता.”

“तशें म्हळयार कशें रायानूं, न्हय नस्तें एकूय उतर हांव उलोवपी न्हय. उदका लोट येवपाची एक भिरांत आसा म्हणून... नासत तर त्या भाटाक हजार रुपया मेळपाक अडचण खंय आसताली? अशें आसतना संयशींय रुपया मेळना जाल्यार कशें जायत?”

ऐताळान हेवटेन तेवटेन पळयलें. आपणें उतर घालना जाल्यार शीनमय्याकच तें पडटा अशें दिशिल्ल्यान मागशीं विचारिल्ले भशेन पांचश्यांकच विचारलें. “पैसो एकठांय जातकीर रजिस्टर करचें. पूण रजिस्टर जा मेरेन ही खबर कोणाकच कळपाक जायना.” म्हूण ताका शिटकावणी दिवन थारावन गेले. पुजारीक मळबच हाताकडेन पावलां अशें दिसलें.

हीं उलोवणीं जाल्ल्या दोनच म्हैन्या भितर ऐताळ भाटाचे मालक जाले. तरिकूय ही खबर तांणी भायर घाली ना. पुजारीनय सांगली ना. एक दीस शीनमय्यान रोख दोनशीं रुपया एकठांय केल्ले ते पुजारीक दिवन उरिल्ले दोनशीं रुपया मागीर दितां अशें सांगया म्हूण येवजिल्लें. त्या भाटाक पुजारीक तितलो पैसो कोणच दिवचो ना हाजी तांका खात्री आशिल्ली. म्हूण पुजारीक घरा आपोवन विशय काडलो जाल्यार ‘तें दिलें’ अशी ताणें जाप दिली. शीनप्पमय्याल्या काळजाक धस्स जालें.

“कितल्याक? कोणाक?” तांणी विचारलें.

“ऐताळांक पांयश्यांक दिलें. तशीं म्हाका लुकसानच जाली. पूण दुडवांची गरज आशिल्ली. कवाथ्यांक नाल्ल लागपाचो वेळ आयिल्लो. अशा वेळार म्हाका दिवपाचें मन नाशिल्लें.”

“तूं खंय रावपाक वतलो आतां भाट सोडून?”

“आतां तांचोच मुंडकार जावन रावलां. देवान उपकार केल्यार एक सोन्या गादी काडटां आनी त्या उत्पन्नांतल्यान दुसरें भाट घेतां. त्या सोन्या धंद्यांत आशिल्लो लाब कित्यांत आसा धनया?”

“तूं पिसो, हांव णवश्यांकय तयार आशिल्लों. पयसो हातांत नासतना उलोवणीं करचीं न्हय म्हूण ओगी आशिल्लों. आज तुवें दिल्लें जाल्यार दोळे धांपून संयशीं उडयतालों.” शीनमय्यान पुजारीक आस दाखोवन घरा धाडलो.

आतां शीनमय्याची पाळी आयली. तें भाट ऐताळान घेतिल्लें तांका सहन जालें ना. “दक्षिणा घेवन दुडू एकठांय करपी हो भट भाट घेवपाक लागलो जाल्यार, म्हज्या भुरग्यांचे जोडींतल्यान हांव एक दीस गांवच घेतले बगर रावचों ना.” तांणी म्हळें. तांची आतां जिद्द पेटली. तांच्या दोगाय चल्यांनी आनी मेवण्यान मेळून काडिल्लें ‘श्री लक्ष्मीनरसिंह प्रसन्न, बेळेपेटे हॉटेल’ बरे तरेन चलताले. तांगेल्या नरसिंह ह्या पुतान ‘आतां केंगेरी केरीतल्यानय आमगेल्या हॉटेलांतलो स्पेशल दोसा खावपाक लोक येतात.’ अशें बरयिल्लें पळयल्यार व्यापार बरो जातालो म्हूण कळटालें. दर म्हयन्याक तांकां पन्नास रुपयांची मनिऑर्डर

येपाक लागली. मय्यान खुशालभरीत जावन आपणाल्या दोन पुतांक धाडिल्ले कडेनच मुंज बांदिल्ल्या तिसऱ्याकय धाडलो. "सालिग्राम उत्सव जालो तसो चवथ्या ओरटाकय धाडपाक जातलें." अशें तांणी थारायले. घरचेच सगळे त्या हॉटेलांत आसल्यार दुसऱ्यांचेर पातेवपाची गरज ना आनी तांकां पैसोय दिवचो लागना म्हळळी शीनमय्याक खात्री आशिल्ली.

अशें तरेन हातांत दुडू नाचपाक लागल्या उपरांत शीनमय्याक बरी इश्टेट घेवपाक ते पैशे खर्च करपाचो विचार आयले बगर कसो रावत? हाका लागून गांवांत कोणेंय इश्टेटीर रीण मागल्यार वो इश्टेट विकपाक काडल्यारय शीनमय्या हेरांकडसून चवकशी काडपाक लागले आनी कोणूय दुसरे घेवपी आसात म्हूण कळळयार पुरो, तांचे परस चार-आठ पोवनां जास्त मोलाक ते विचारपाक लागले. ऐताळांची ताजेर नदर आसा म्हूण कळळयार 'शंभर दोनशीं चड गेल्यारय काळजी ना' म्हणपाक लागले. तांचे हे सर्तीक लागून जालें कितें म्हळयार, खंय खंय पांच-धा कुणग्यो ल्हान ल्हान शेतां आशिल्लीं तीं सगळीं तांगेल्या नांवार जालीं. तितलें कित्याक? राम ऐताळाल्या शेताचे हेवटेन तेवटेन आशिल्लीं दोन-चार कुणग्यां शेतां तिरांटेय शीनमय्याल्या नांवार जाले.

ऐताळक ही गजाल कळळी त्या दिसा ते रागान तापले. 'इश्टेट घेवपाकय एक नेम नाका? म्हज्या भाटाक लागून आसा म्हूण हांवें पुजारीलें भाट घेतलें शिवाय तें दुसरेकडेन आसल्यार हांव घेतालों तर? हाजी तराच वेगळी. हाका ह्या ल्हान शेता तिरांट्यान एका दुडवाचो लाब तरी जातलो? पैर मणूरात चार पांच कुणग्याचीं शेतां घेतल्यांत. तातूंत हाका रोवपाक तरी जातलें? नांगर फिरोवपाक सुवात नाशिल्लीं शेतां घेतिल्ल्यान तिर्वो भरपाचो पडटलो शिवाय घाल्लो पैसो कांय परतो येवपाचो ना." म्हळें.

शीनमय्या पिशे तर? तांच्या मनान खंयची तरी वाट धरल्या. जमनी विकपाक येवपीं पांच-स कुणग्यां जमनीचे मालकच आसतात. जांचें बरें आसा ते विकपाक येनात. जे येतात, तांचेंच घेतल्यार धा जाणांचेर प्रभाव पडटा म्हळें समाधान तांका जातालें. इतलेंच न्हय, तांच्यो कांय येवजण्योय आशिल्ल्यो. ऐताळाल्या शेताचें पळोवया. तांचें शेतय धा कुणगी बियाचें आसा. त्या शेताचे तीनूय वटेनचे शेतां तिरांटे आतां शीनय्यान घेतल्यात. चवथे वाटेन आसा ती जमीन दुसऱ्याची. ती आपणें कशेंय तरेन भितर घाली जायत आनी फाल्यां आपणाल्या जाग्या भोंवतणी वंय घाली जायत तर ऐताळालें शेत मदल्या जुंव्या भशेन जातलें. तेन्ना ताणें तें आपणाकच विकपाक जाय. अशें जायत तर सगळे शेता कुडके मेळोवन एक-दोन मुडीचें शेत जावपाचें ना? ना जाल्यारय ऐताळांक सतावपाक तरी जातलें. "शीनमय्याली भीड वो भंय नाशिल्लो गांवांत कोणूच उरचो न्हय" हो विचार मनांत घेवन ते पावलां घालताले. इश्टेट करपाची पद्दत आनी बुद्दीबळ खेळपाची तरा एकूच आसता हो शीनमय्यान आपणायिल्लो सिद्धांत आशिल्लो.

शीनमय्यालो व्हडलो पूत बेंगळुराक पाविल्ल्या सात आठ वर्सां भितर तांगेले चौगजाण पूत बेंगळुराक पावले. तांचे बळेपेटेतलें हॉटेल भरभराटेक आयल्या उपरांत तरगुपेटे आनी चिक्कपेटे हांगाय ल्हान हॉटेलां तांणी घालीं. हेवटेन देवानय तांचेर दया दाखयली. दर दोन वर्सांत एक चलो भुरगो ह्या हिशेबान आतां शीनमय्या आठ भुरग्यांचे बापूय जाल्ले. 'देवाली इत्सा आसल्यार येता त्या वर्सा संवसारपाडव्या मेरेन नरसिंवाक लग्न करून उडयतां. ह्या राम ऐताळाल्या दुसरेपणाच्या लग्ना परस चड दबाज्यान लग्न करतां. लग्ना

दिसा मण्णूरसाकून कोडीमेरेन आनी दर्यासाकून बारकूर मेरेन सगळी जमीन फोगोटी मारून हालोवन उडयतां!' तांणी निश्चेव केलो.

शीनभय्याल्या तोंडाफटाशीक संसार पिसो जावपाचो ना हें जरी खरें आसलें तरी तांचे कडेन गांठ जायत आसा म्हूण जाणा जाल्ले धा-पंद्रा रुपया जावं हजार रुपया जावं, रीण मागपाक येवपाक लागले. एकच कडेन तांणी पैसो ओतलो ना. सरकारी दुडू भरपाचें सामकेंच गळयाक लागलें म्हण्टकच पारंपळळी वासदेव सावकारानय तांचे कडसून उश्णे मागले. 'कागदाचो एक कुडकोय घेनासतना सावकाराक रीण दिलां.' म्हूण शीनमय्याक अभिमान दिसलो. उश्णे घेतिल्ले परते मेळपाक चड दीस वतले अशें दिसल्या बराबर ताकतिकेन चार-चार दिसांनी सावकारागेर पावटी मारून निमणे ताजे कागदय करून घेतले. गांवच्या सावकाराक रीण दिवपी शीनमय्या कोडीचो व्हड मनीस जायत गेलो हाजें अजाप तें कसलें? लग्नां-मुंजी वेळार भटा वांगडाच भोंवपी शीना आतां सावकाराले पंगतींतय मुखार आसपाक लागले. हे वटेन हिशेब कळनाशिल्ल्यांक चक्रवाड कळंतराचे उणे मुदतीचें रीणय दिवपाक लागले. रांपण घालपी मोगेर सगळे तांकां आतां वांकून नमस्कार करताले.

एक दीस शीनमय्या सावकारागेर लग्नाक गेल्ले. शेजारच्या गांवांतल्या चल्याक सावकाराली चली दिल्ली. त्या वेळार शीनमय्याक थंय बरो आदर सत्कार मेळ्ळो. हे वटेन ऐताळय भटा वांगडा आशिल्ले. त्या घरांतल्या नेमा प्रमाण सगळयांक साखरेचें पानक दिल्लें. पूण शीनमय्याक चांदीच्या कोळग्यांत तें दोन-दोन फावटीं दिलें. भटपण करपी ऐताळांक काश्या गिंडेंत एकच फावटी दिवन मेकळे केल्ले.

सावकारांच्या लग्नाक बसरूरचे नागम्मा येनासतना रावना. आतां नागम्माक वय जालां. तें नाचना. पूण तंबूर वाजयता. तिगेली वयावेलीं दोग चेडवां- चंदू आनी राजीवी भरतनाट्य करतात. नाच जाल्या उपरांत गांवच्या सावकारांक मानपानाची कार्यावळ सुरु जाली. एकटो राजीवीक आपोवन आनेकट्याक सलाम करपाक लायतालो तर दुसरो चंदूक आपोवन प्रतिसलाम करपाक लायतालो. त्या एकाच लग्नांत शीनमय्यान अठरा पटीं 'शीनमय्या महाराजको दौलत जादा' करून घेतलें. जांणी तो मान दिवपाक लायिल्लो, तांकां तो मान परतो करपा खातीर शीनप्पमय्यान चड विचार करनासतना 'अठरा दुणे छत्तीस, म्हळयार, णव चवली इतले' दुडू खर्च केले. एकूय सलाम मेळनाशिल्ल्या राम ऐताळालें तोंड मात त्या दिसा सामकेंच उतरलें. भटपण करतल्यांनी तो मान घेवपाची पद्धतय नाशिल्ली. पूण शीनमय्या उंच पावंड्यार पावलो आनी ताणें तितलो मान मेळयलो तें पळोवन तांच्या मनाक बरें दिसलें ना. हांका तें बरें दिसलें ना म्हूण शीनमय्या मय्या जायत वचपाचें थांबलें ना.

घरा पावतकीर ऐताळ सत्यभामे वांगडा 'त्या शीनाक आतां आमचे सारकेले दोळयांकच दिसनात. देड दमडेच्या कलवंतांचे सलाम मेळटात ताका. आज णव चवल्यो होगडावन अठरा सलाम घेतले. थंय चा-काफीचें उदाक विकून चोरडांनी मेळयिल्लो पयसो हांगा नायकीणपण करतल्या बायलांचेर होगडावप म्हळयार कितें व्हडलें काम?' म्हळें. सत्यान घोवाविशीं खूब सहानुभूती दाखयली. तांचें मन खूबच दुखलां म्हळळें तिका दिशिल्लें. "कोणाचे पैशे गेल्यार कोणाक कितें? दुडू होगडावचो असलो मार्ग मात आमकां नाका." तिणें बुदवंतकायेचीं चार उतरां घोवाक सांगलीं.

तरी पूण ऐताळ ओगी रावले नात. खंयच्या तरी एका इश्टा कडसून बेंगळूरच्या नरसिंवाक 'तूं थंय हूम गळोवन पैसो जोडटा. हांगा तुजो बापूय ह्या म्हातारपणांत तो पैसो नायकिणीक दिवन खर्च करता.' म्हूण सांगपाक लायलें. तो चलो पयलीं पयलीं भियेलो. पूण निमाणें आपणाल्या मावळयाल्या उतरान ताका समाधान जालें. "कोणें तरी वायटपणाक लागून केल्ली किचांट" अशें समजून तो ओगी रावलो.

गुडी पाडव्याचे दीस लागीं आयले. तीन वर्सां मेरेन गांवांत आयलो नाशिल्लो नरसिंव एका सप्तका खातीर घरा आयलो. बेंगळूरच्या तीनूय हॉटेलांची उदरगतीची खबर चल्या कडसूनच आयकून शीनप्पमय्या खुशालभरीत जाले. नरसिंव देवान आपणाल्या घराचें 'अदृष्ट बदलायलें.' अशें तांकां दिसलें. नरसिंवाक आतां अठरा वर्सां पिराय जाल्ली. तो हॉटेलाचें सगळें काम जाणा जावन आतां तर मालकच जाल्लो. ताज्या मावळयान सल्लो दिलो देखून तो आतां घरा आयिल्लो - थंय जो पैसो येता तो हांगा सारको उपयोगाक लाय म्हूण बापायक सांगपाक. तशें ताणें घरा येवन "मामान सांगलां, खंयचीय बरी जमीन बी घेवपाक जाय" म्हळें. बापायन हांसत "कितें? तो एकटोच बुदवंत? तुवें धाडिल्लो पैसो हांव कितें करता अशें तुका दिसलें?" अशें म्हणत आपणें घेतिल्ल्या शेतांची खबर सांगली. हें तोय जाणा जाल्लो. "पूण मामा म्हणटा, एकूच कडेन आशिल्ली खंयचीय जमीन धेवची सोडून हांगा एक थंय एक कुडके घेवन खंयचीच गेण सारखी मेळनासतना लुकसान करून घेवपांत लाब कितें आसा म्हूण?" ताजो दुबाव ताणें उलोवन दाखयलो. मावळयाकय चार हजार रुपयांची जमीन सोदून दवर म्हूणय ताणें बापायक सांगलें.

शीनमय्याक विचार पडलो. ताणें घेतिल्ल्या जमनींक लागून हेरांक त्रासांत घालपाक बरें आशिल्ले. पूण ती जमीन रोवपाक जावपा सारकीं न्हय आशिल्ली. दुसऱ्याक रोवपाक दिवन गेण वसूल करपाचे त्रास कितले तें तांकां अणभवान कळिल्लें. हांगा रीण दिल्ल्या थोड्या पयश्यांचेर कळंतर मेळटालें. पूण सावकाराक दिल्ल्या दुडवांचें कळंतर तशेंच उरिल्लें. ह्या सगळया कारणांक लागून आपणें मेवण्यान दिल्लो सल्लो घेवप बरो अशें तांकां दिसलें. त्या मेवण्यान आदार दिल्लो नाशिल्लो तर नरसिंव तीन हॉटेलांचो मालक जावपाचो नाशिल्लो. अशें जाल्ल्यान पुताकडेन, "नरसिंवा, तुवें सागिल्लो 'पॉयंट' खरो आसा, तशेंच करया" म्हळें. त्याच वेळार नरसिंवाक लग्न करपाचो तांकां विचार आयलो. "बेंगळुरा वचपाचो वेळ जालो. आतां नाका, मुखाल्ल्या वर्सा पळोवया" म्हूण नरसिंवान सांगलें.

वतना ताणें आपल्या वांगडा चवथ्या भावाकय व्हेलें. वतना बापायक, "बाप्पा, तरोव घालो तशें बेंगळुरांत येवन आमच्या वांगडा दोन म्हयने तुवें रावपाक जाय म्हूण मामान सांगलां" म्हळें. शीनमय्या बेंगळुरा वचपाक जाय म्हळळें सपन रंगयत आशिल्लोच. काशीयात्रेक वतना करतात तशी बोवाळ बेंगळुरा यात्रे वेळार करचो अशें तांणी थारायलें.

गीम सोपलो आनी पावसाळो लागलो. शीनमय्यान ताकतिकेन रोवपाचें काम मेकळें केलें. पावस मात कमी जायत जाल्यार 'शिमोग्याक वचून रेल्वे धरपाचो' विचार तांणी केलो. पूण 'शिमोग्याक पावप कशें?' म्हळळो विचार सतावपाक लागलो. तांचीं भुरगीं सगळीं चार आठ कडेन विसव घेत चलतच थंय मेरेन वतालीं जरी आसलीं तरी आपणाले योग्यताये प्रमाण बैल गाडयेंतच वचपाक जाय. पूण वाटेर आशिल्ली न्हंय कशी पार करप? पावस-वारे मारल्यार आगुंबे घांट चडप कसो? गाडेर वचनासतना घांटा मेरेन तरी

पांयांनी चलत वचया म्हळ्यार थंय कांटयो आपणाले रगत ओडनासतना कश्यो सोडतीत म्हळ्ळयो एका फाटल्यान एक येवजण्यो येवपाक लागल्यो. आपणाक चलपाची शक्त आसा. चलत वचपय साध्य आसा. पूण सावकाराले पंगतींत पाविल्लो आपूण शिमोग्या मेरेन चलत गेल्यार व्हडपणाक उणें जावचें ना? “चोरडां म्हयन्या म्हयन्याक शंभर रुपय दितात. हांकां चलत वचपाक कसली धाड माल्ली?” म्हूण सगळे हांसपाचे नात? होय विचार आयलो.

गांवांत रावतल्यांक चलत वचप म्हळ्यार त्या काळांत तशी व्हडशी गजाल न्हय आशिल्ली. नवरात्री वेळार श्रृंगेरी मेरेन चलत वचपाची आठ वर्सां भुरग्यांकय संवय आसता. नवरात्री वेळार पावस आयल्या बगर रावता? कांय वर्सां मागशीं, थंय बायलांक धर्मार्थ कापडां वांटटात म्हूण कळतकच गांवच्या बायलां वांगडा मय्याली बायलय चलत गेल्ली न्हय? हें सगळें खरें आसलें तरी मय्यालें मन मात चलत वचपाक तयार नाशिल्लें. एक दीस बंदरा सावकारा कडेन गेल्ल्या व़ेळार तांचो तांणी सल्लो घेतलो. ‘कितेंय केलें तरी लुवणी जावचे पैलीं येवपाक जावपाचें ना. आंगांतय बरें ना’ म्हूण पुतांक पत्र बरोवन कळयलें. पूण गांवभर भोंवन तोंडान फटाशी मारपाक आनी व्हडपण मिरोवपाक तांकां कसलीच अडचण आयली ना.

हेवटेन बापूय येतलो म्हूण वाट पळोवपी चोरडांक वाट पळोवन तो आयलो ना म्हूण खूब वायट दिसलें. ‘दिवाळी जातकच तरी बेंगळुराक येनासतना रावंनाका’ म्हूण पुतान तांकां कार्ड बरयलें.

शीनमय्याक बेंगळूर वचपाचें चुकयिल्ल्यान असमाधान जरी जाल्लें तरी म्हयन्याक पन्नास-शंभर रुपया येत आशिल्ल्यान मन खुशालभरीत आशिल्लें. ते आपणाल्या मेवण्याखातीर तीन हजार रुपयांची जमीन घेवपाचे येवजणेंत आशिल्ले. आशिल्ल्या नाशिल्ल्यांक, दितल्यांक दिवपा नाशिल्ल्यांक, जे मेळटात तांचे कडेन व्हडपण मिरयत बरी जमीन विकत दिवपाची आसल्यार कळयात म्हूण सांगत आसताले. उण्यांत उणे धा हजार रुपया एकाच धपक्यांत उडोवपाची तांक तांच्यात आसा अशें तांचीं उतरां आयकतल्यांक दिसतालें.

रोवप जावन लुवणी जायमेरेन शीनमय्याले जिणेंत आनीक एक म्हत्त्वाची घडणूक घडली. तांगेल्या सावकारागेरच आनीक एका लग्नाची तयारी चलताली. वासदेव सावकार अविभक्त कुटुंबाचे मालक. शीनमय्याक एका फाटल्यान एक ‘दौलत जादा’ चो मान मेळोवन दिवपी फाटीं जाल्लें लग्न तांचेच धुवेचें: आतां तांगेल्या व्हडल्या भावाल्या चल्याचें लग्न जावपाचें आशिल्लें. सोपिल्ल्या भावाल्या चल्याचें लग्न आदल्या लग्नाभशेन दबाज्यःन करपाचें तांकां मनांत नाशिल्लें. मनाचें सोड, आतां तशी तांगेली परिस्थितीय नाशिल्ली. हाका लागून पावसाळ्यांत लग्न करचें अशें तांणी थारायलें. तांच्या गांवांतसून धा-बारा मैलांचेर उदेंन्तेक कोक्करणे लागीं आशिल्ल्या एका खेड्यांतली चली हाडपाचीं उलोवणीं जाल्लीं. चलेकार गिरेस्त आशिल्ले. तांकां तीन चल्योच आशिल्ल्यो. मुखार इश्टेटींतलो तीनांतलो एक वांटो आपणा कडेन येतलो म्हळ्ळया विचारान हें लग्न ठरयिल्लें. पावसाळ्यांतल्या ह्या लग्नाक फकत बोटांनी मेजपी लोक आयल्यार पुरो म्हळ्ळया हिशेबान सगळी तयारी केली. त्या बोटांत शीनमय्याचोय आसपाव आशिल्लो म्हूण सांगपाची गरज

नाशिल्ली.

समावर्तन आशिल्ल्या दिसा दनपारचें दिबण भायर सरचें अशें थारायलें. रातीं चान्नेय आशिल्लें. इतले दीस पडलो ना तसो त्या दिसाय पावस पडनासतना रावल्यार मध्यान राती मेरेन दिबणांतले लोक बारा मैल पयशिल्ल्या कोक्करणेंत व्हड्यान सहज पावतले आशिल्ले. गाडयेन वचपाकय सारकी वाट ना. व्हड्यांतल्यान वचप सगळयांक बरें दिसलें. एकूच अडचण आशिल्ली. पावसान घोळ केल्यार आनी वारे घो घो व्हांवल्यार जीव सांबाळून कोक्करणेंत पावपय सारकें आनी काशीयात्रा पूर्ण करपय सारकें अशें आशिल्ल्यान आणेगुड्यावेल्या सिद्धीविनायकाक हजार नाल्लांची सांगणी करून ताजेरच भरीभार घालून दिबण भायर सरले.

सावकाराले घरांतले मुखेल, पुरोहीत, न्हवरो, शीनमय्या सारके चार पांच जाण मानादीक गिरेस्त अशे आदीं थारायिल्ले भशेन हाता बोटान मेजपा इतलेच जाण भायर सरले. वाजंत्र्यांनी तांचे बरोबर येनासतना दुसऱ्या दिसा मार्गावेल्यान चलत येवन पावल्यार पुरो अशें थारायलें. पूण सावकारागेरच्या शुभकार्यांत सदांच आसपाकच जाय आशिल्लो नाचप्या-गावप्यांचो मेळ बरोबर आसलो बगर निर्वाय नाशिल्लो. बायलांक आनी भटांक एक व्हड व्हड्यांत बसयले. सावकार, शीनमय्या आनी तसलेच एक दोग गांवांतले गिरेस्त दुसऱ्या व्हड्यांत बसले. ह्या व्हड्यांत तंबूरी नागम्मा, तिगेल्यो चंदु-राजीवी हीं दोगां चेडवां आनी वाजोवपी सुब्बा हांकांय जागो दिल्लो. दीस बुडपाक पारभर आसतना व्हड्याचें शीड सोडून दिबण वचपाक लागलें. व्हडीं थांबनासतना वतालीं.

दीस बुडपाचो आसतनाच माडाभाटाचे कुशीतल्यान सोबीत बांदां मदल्यान व्हडीं मुखार गेलीं. बारकूर फाटीं गेलें. आतां फकत स-सात मैल पावपाचें उल्लां. असोच जाय तसो वारो व्हांवत आनी मळब निवळ आसत तर एक पार रात जा मेरेन कोक्करणेक पावपाक जातालें. न्हवरेकारांची वेवस्था केल्ल्या बिराडांत थारायिल्ले घटकेक पावतले म्हूण सगळयांक समाधान जालें. "आणेगुड्यावेलो गणपती पावतलो" म्हूण सावकारान म्हळें. "देव हात सोडचो ना" तंबूरी नागम्मानय म्हळें.

व्हडीं अशे तरेन मुखार वतेर आसतना रात पडली. मळबार चंद्रय दिसपाक लागलो. व्हड्यांतलो प्रवास सपनांतल्या ल्हारां भशेन खोस दिवपी जालो. सावकारांनी मेळातल्यांक आपोवन घेवन "वाजंत्रीय नात; पावसय पडना. ओगीच नाका तें उलयत वेळ होगडावचोपरस तंबुरो वाजयल्यार आनी राजीवीन मातसो ताल लायलो जाल्यार आयकतल्यांचो वेळ बरो वतलो" म्हळें. रसीक सावकारांनी तशें म्हळें नंतर शीनमय्यान आपुणय तांतलो जाणकार अशें दाखोवपाक "सावकारानूं, तुमगेरच्या लग्नांत राजीवीन पदां म्हळळें आनी नाचिल्लें भोव बरें जाल्लें. तशें पळयल्यार राजीवीली भयणय कांय उणी ना." म्हणत तांगेली तोखणाय केली. उदका मदगतीं वतना सगळयांक संगीत आयकनशें दिसलें. सगळे उमेदींत आशिल्ले. पदां म्हणपाक सुरवात जालीं. सावकारान संगिताची जाण आशिल्ले भशेन 'हें पद, तें पद' 'नच चूं चूं म्हण' म्हळें. मय्यान "तिणें कितेंय गायल्यार बरें आसता" म्हळें. संगीत आनी संगीत गावप्यां विशीं सावकारांत आनी मय्यांत आस्था वाडत गेली आनी ते तातूंत गुंग जाले. आंगार पावसाचे थेंबे पडपाक लागले उपरांतच तांकां त्या सपनांतल्यान जाग आयली. हांचें व्हडें फाटीं उरलें. मुखाल्लें व्हडें हांच्या उल्या

परस पैस पाविल्लें.

"हो बारीक पावस, आतां वतलो. गरज नासतना तंबुरो मात भिजोंव नाकात" मय्यान सुचयलें. "कितें, पानां चंची तुमी हाडपाक विसरले अशें दिसता" संगीत पंगडाचे यजमान्नेन म्हळें. चंची क़ाडमेरेन वारो सुटलो. पावस जोरांत आयलो. व्हडेकाराक चार वांवा सामखारची वाटय दिसना जाली. "जाता ते यल करून तडीक तरी पावया. उदका मदेंगात व्हडें रावोवचें नाका" म्हणत व्हडें तडेवटेन व्हरपाचो यल केलो. त्या पावस-वाऱ्याचें लोटान सगळयांक न्हाणयलें. मुखार गेल्ल्या व्हड्याविशीं सावकाराक भिरांत दिसली. त्या पावसा बोवाळांत कितलोय उलो मारलो जाल्यार लागिच्यांक आयकल्यार न्हय पैशिल्ल्यांक आयकुवपाचें!

व्हडें अशें तशें तडेक पावलें. हांणी पाविल्ली तड वयर चडपाक जावपासारकी न्हय. चोंयवटेन वांवभर वाडिल्लें तण आशिल्लें. व्हडें मुखार वचना, फाटीं य सरना, थंयच रावलें. सातीं आसूनय सगळे जाण भिजले. व्हड्या भितरय उदकाचें कोंड जालें. थंडेन सगळे कुडकुडपाक लागले. पूण करतले कितें? पावस थांबनासतना धडेर वचपाचें साध्य नाशिल्लें. कोणाकय आपोवन खंय पावल्यात तें समजून घेवपय साध्य नाशिल्लें. शीनमय्याक 'बेंगळूरची भोंवडी चुकयिल्लो हांव ह्या दिबणा राटावळींत शिरकलो न्हय!' अशें दिसलें.

वर भर नरकयातना सगळयांक भोगल्यो. तो पावस-वारो जितलो बेगीन आयलो, तितलोच बेगीन ना जालो. मळब निवळ जालें. चान्नें दुदा भशेन पडलें आनी न्हंय हांसली. 'व्हडें मुखार व्हरचें?' व्हडेकारान प्रस्न केलो. "हांगा रावन करचें कितें? लागीं कोणाचेंय घर आसलें जाल्यार..." सावकारान म्हळें. "घर मेळपाक जाय जाल्यार कोसभर तरी वचपाक जाय. मुखार अर्द कोस गेले जाल्यार कोक्करणे गांवांतच पावतात" म्हळें. "जावं, आणेगुड्यावेल्या गणपतीनच अशें फटयलें म्हणटकीर मनीस कितें करतलो? कितेंय जावं मुखाल्ल्या व्हड्याक व्हडान उलो मार म्हळें. ताणें केदोय उलो मारलो तरी परती जाप मेळ्ळी ना "ते खूब मुखार पावले अशें दिसता." व्हडेकारान अदमास केलो.

व्हडें परतून न्हंयेंतल्यान वचपाक लागलें. पावसान भिजिल्ल्यांनी आंगावेले आसा तशें पिळून घालपाचो विचार केलो. कलवंतांच्या पंगडात आशिल्ल्यांचें सोडत तर हेर सगळयांच्या आंगाचे मुखाल्ल्या व्हड्यांत आशिल्ले. अशें शियान कुडकुडचें पडलें न्हय म्हूण शीनमय्याक वायट दिसलें. पूण उपरांत शीनमय्याक ही घडणूक फायद्याची कशी दिसली. सावकार तांच्या कानांत कितें तरी फुतफुतले. तेन्ना मय्या हांसत चान्न्या उजवाडांत दाव्या दोळयान चंदू आनी राजीवीची सोबीतकाय चोरयां पळोवपाक लागले. मध्यान राती कोक्करणेक पावपा वेळार पावसान जाल्लें तांचे त्रासाचें भोगणें खंयचे खंय ना जाल्लें आनी तांच्या मनांत अवर्णनीय अशीं सुखां सपनां घोळपाक लागिल्लीं.

हांचे व्हडें कोक्करणे बाजारा कडेन पावलें तेन्ना व्हंकलकार थंय चुडी पेटोवन वाट पळयताले. वरभर आदीं दिबणाचें पयलेंचे व्हडें थंय पाविल्लें. तें व्हडे आदीं पाविल्ल्यान फकत पावसाचे चार थेंब आनी वारो इतलेंच आंगर घेवन तांतले सगळे जाण बिराडांत पाविल्ले.

शीनमय्यान सकयल देंवत "कोणाक नाशिल्ले ग्रहचार आमकां लागपाक जाय

आशिल्ले?" म्हणटा म्हणसर, नागम्मान "तशें न्हय, हांतल्या कोणाचें तरी एकट्याचें ग्रहमान बरें नाशिल्ल्यान आमकां सगळयांक तें बादलें." म्हळें "कोण बाबा तो?" म्हणत सगळे जाण हांगा थंय चोयत हांसले. सावकार बिराडाचें घरांत पावले. तांचे बरोबर आशिल्लेय भितर आयले. थंय सगळयांक आदर सत्कार जालो. "हूनहुनशें इल्लें जेवन घेवया आनी थंड पडया" म्हूण शीनमय्यान म्हळें. "शीनमय्यानूं, थंड ओली कापडां आंगार दवरून न्हिदपाक आमकां सुतक आसा काय बारावो आसा?" नागम्मा हांसत मस्कऱ्यान उलयली. "तुज्या तोंडांतल्यान बचाव ना सायबिणे!" शीनमय्यान जाप दिली. "तिज्या तोंडांतच तुमी बसका मारल्या काय कितें?" राजीवीन उतराक उतर मारलें. शीनमय्याकडेन हांसत, दोळे मोडत राजीवी पयलेच फावटीं उलयताली. मय्याक कितें उलोवचें तें कळना जालें. तांणी "आवय परस वस्ताद आसा" म्हळें. "आतां काळांतलीं भुरगीं पळयात तीं!" आदयन हांसत म्हळें.

बिराडा जाग्यार भोव बरें जेवण आनी मानपान जालें. रात चड जाली. जांका तांका नेमून दिल्ल्या जाग्यार सगळे जाण न्हिदले. "कितें कोण जाणा, न्हीदच पडना," म्हणत सावकार सीनमय्याक घेवन एक व्हयरेंत आयले. मुखार पान-सुपारीचें ताटय पावलें. तंबाकूचो कुडको मागपाक तबलें वाजोवपी सुब्बा आयलो. सावकारान ल्हवूच "सुब्बा, विडो करून दिवपी नासतना विड्याक रंग कसो चडत?" म्हळें.

आपोवणें पावता म्हणसर मातय वेळ व्हडिनासतना नागम्मा, चंदू आनी राजीवी थंय येवन पावलीं. नागम्मा बुदवंतकायेन उलयत वेळ काडत आशिल्ली. सावकाराक चंदू आनी मय्याक राजीवी पाना विडो रंगोवन खुशालभरीत करत आशिल्लीं. वेळ जालो म्हूण नागम्मा उठून गेली.

ती रात सोंपली. दोगाय सावकारांक जाग आयिल्ल्या वेळार उजवाड जावन बरोच वेळ जाल्लो. सकाळचें तांकां तानेचें तयार दवरिल्लें. बेगिबेगिन तांणी तोंड बी धुवन तानेक घेतलें. सावकार शीनप्पमय्याक वांगडा घेवन सोयऱ्यागेर गेलो. थंयची माटवाची मांडणी, आदर सत्काराची वेवस्था बी सगळें ते पळोवन आयले. "चार दीस हांगाच रावपाचें करात." यजमानान तांकां सुचयलें. "दोनूय वटेच्या सोयऱ्यांनी एकच कडेन रावल्यार गच्ची जातली. तें बिराड बरे आसा. जांकां चलपाक जाता, ते थंय बिराडांतच रावंदीत. हांगासून ते कितें पैस? आमच्या कोडीसाकून पारंपळीक गेल्ले इतलेंय ना. जांकां चलपाचें नाका ते हांगा रावंदीत." शीनमय्यान सुचयलें. "हें बरोबर" सावकारान तांकां तेंको दिलो.

त्या दिसा सांजे गोंधळीक-लग्नावेळार 'पावसान आनी आणेगुड्यावेल्या गणपतीन अनुग्रह केल्यार पुरो.' म्हूण मागणें घालें. आदल्या दिसा गणपतीन तांच्यांतल्या अर्द लोकांक पावसांत भिजयिल्ले खरें, तरी ताका शरण गेल्या बगर उपाय नाशिल्लो. कितेंय जावं, तांचें मागणें देवान मानलें जावपाक जाय. लग्नाची अक्षता पडमेरेन पावसाचो थेंबय पडलो ना. त्या उपरांत दोन-तीन वरां मेरेन तो घोग्यांनी पडलो. कलवंता मेळान सलामी दिवपाची कार्यावळ ताका लागून जाली ना. सावकार आनी मय्याक सलाम घेवपाची आनी दिवपाची जी उमेद आशिल्ली ती अर्दारच सोडची पडली.

जेवणा पंगत जाली तशे सावकार आनी मय्या बिराडाच्या घरांत पावले. "लग्ना घरांतले धांदळीत आमकां न्हीद पडपाची ना," म्हूण कलावंताल्या मेळांतल्यान म्हळें. जे

दादले उमेदीचे आसात तांणी मात बिराडा घरा वचपाचें अशें आदीं थारयिल्लें आसतनाय राजीवी, चंदू आनी नागम्माय तांच्या वांगडा बिराडा घरांतच न्हिदपाक आयलीं

लग्नाचे चारय दीस बिराडा घरांतलो गोंदळ सांगचो न्हय. संगीत, नाच, पानाविड्याची बी कार्यावळ पळयली जायत तर लग्नाचें घर हें काय तें म्हूण समजुवप कठीण आशिल्लें. कशेंय जावं, चार दिसांचें लग्न दबाज्यान जालें. सोयऱ्यागेरचो आदर सत्कार जाय आशिल्ल्यांक तो आदर सत्कार मेळळो आनी चंदू-राजीवील्या गोड उतरांनी तृप्त जावपी आशिल्ल्यांक तीं उतरांय मेळळीं. चवथो दीस जातकच, घरच्या बायलांच्या हट्टाक लागून रातीचो व्हड्या प्रवास नाका अशें थारावन दिसाउजवाडांतच गांवांत येवपाचें केलें. परत येतना पावसाचे त्रास नाशिल्लें. खर वतान सगळे जाण तापले. कशेंय जावं दनपाराच्या कडार सगळे जाण गांवांत पावले.

अशे तरेन घरा परतुवप शीनमय्याक सुखाचें जालें ना. राजीवीक बसरूराक धाडप तांकां जिवार आयलें. तो वेळ मेरेन रसीकतायेचे कांयच नेणा जाल्ले ते तिज्या सहवासांत सगळें शिकिल्ले. देखून तिजेविशीं तांकां चड आदर आनी मोग दिसपाक लागलो. तिणेंय वतना "मय्यानूं, तुमी कुंदापुराक केन्ना ना केन्ना येत आसतात. आमकां गरिबांक दर्शन दिवपाचो उपकार करात." म्हळें. त्या खिणासाकून "कुंदापुराक म्हाका केन्ना काम आसा?" ह्या विचारांत ते गुल्ल जाले.

सावकाराली लग्नाची खबर गांवभर जाली. राम ऐताळांक फाटल्या लग्नाक आपोवणें आशिल्लें. पूण हे फावट तें मेळनासतना रावपाक कारण कितें म्हूण ते येवजीत आसतनाच लग्न जावन परत आयिल्ली खबरय तांकां मेळळी. चार आठ दिसां भितर शीनमय्याल्या नव्या पुरूशार्थाची खबरय पावली. "हां, आमगेल्या कोडी गांवचो सावकार, पारंपळळीच्या त्या सावकारालो साडू जालो तर!" ते उपहासान हांसले.

O

11

राम एताळागेर चली जाली तेन्ना लच्चाक साडेतीन वर्सां जाल्लीं. सत्यभामा आपण्याले चलयेक घेवन घरा आयली. ती आयली म्हूण लच्चाचेर तसो कांय परिणाम जालों ना. सत्यभामा कुकूबाळाचेर मायेमोग करताली ताजें लच्चाक वायट दिस नाशिल्लें. हाजे कारण तो आवयचो भुरगो जावचे बदला व्होडाम्मालोच जाल्लो म्हळयार जाता. भैण घरा पावलें उपरांत आवयचें तोंड चार पटीं पळयल्यार व्होडाम्माचें तोंड चौदा पटी ताका नदरेक पडटालें. हें सत्यभामेक सोसनाशिल्लें? कशें सोसत? तेन्ना ती चल्याक लागीं आपयताली "लच्चा, भयणीवांगडा खेळना?" म्हूण विचारताली. "म्हाका भयण नाका." तो जाप दितालो. "म्हज्या वांगडा खेळना?" म्हूण ती विचारताली "तूं म्हाका हांडीर घे; भयणीक सकल न्हिदाय" म्हूण तो म्हणटलो. तशें करप तिका जमनाशिल्लें. तिका वायट दिसतालें. "तूं हांच्या तांच्या हातांत व्हड जावपाक म्हज्या पोटांत जल्माक आयलो." म्हूण ती दुखेस्त जाताली.

हे वटेन लच्चा पारोती कडेन खूब उलयत जरी उरतालो तरी ती मात घरांत आसतना हेरांक दिसपा इतलो ताजेर मोग करनाशिल्ली. घराचो देणपो हुपून भायर पावतकच लच्चा आनी पारोती हांचें बरें चलतालें. आपणाल्या पोटांत एक चलो भुरगो जाल्यार जातालो म्हळी इत्सा भागोवपा इतली माया ती ताजेर ओतताली. लच्चाक सत्यभामा ही नांवापुरती आवय आशिल्ली. दीस वतां वता सत्यभामेक ही चिंता चड सतावपाक लागली. घरांत बसून पुताक खेळोवपाक राम ऐताळाक वेळ मेळनाशिल्लो. सांजे घरा आयल्या उपरांत ते ताजे कडेन उलयतालें. लच्चा व्होडाम्माच्या फाटल्यानच उरता हें ते पळयतालें. ताका सांगूनय उपयोग जावचो ना हें ते जाणा आशिल्ले. सत्यभामा आपणाली व्यथा घोवा कडेन सांगनासतना कशीं रावत? "फाल्यां सुबीय व्हड जावन व्होडाम्मा फाटल्यान लागल्यार हांव बाळांतपणाचे त्रास सोंसपाकच म्हूण जाली." म्हणटाली. ऐताळांकय तिचें चिंतेची खोलाय कळटाली. पूण तांतल्यान वाट काडप तांकां जमनाशिल्लें. लच्चाक चार जावन पांचवें वर्स लागलें म्हणटकर हांतल्यान सुटका मेळपाची एक वाट तांकां दिसली. "लच्चालें शिक्षण जावपाक जाय न्हय? ताका मल्पे लागीं आशिल्लें सरकारी शाळेंत घालपाक जातलें. चलो आज्याल्या घरांत वाडल्यार ताका बरी देखय मेळटली" म्हूण सत्यभामेन सुचयलें. ऐताळाक पुताक सोडून रावपाचें मन नाशिल्ल्यान "इतले बेगी कसली ताकतीक?" म्हणत ते दीस काडतालें. भुरग्याक पांच वर्सां पूर्ण जातकच एक दीस सरसोतीन, "अण्णा, हे नवरात्रीचे प्रतिपदेक आमगेल्या शंकर अय्यगळाल्या मठांत लच्चाक धाडपाक जाय. चोरडाक श्रीगणेश आनी पाढे तरी शिकोवपाचे नाका? पारंपळळी वासदेव सावकाराल्या भुरग्यांक कुंदापुरांत, काय उडुपींत इंग्लीश शिकपाक धाडटात खंय- लच्चाक इंग्लीश-बिंग्लीश नाका. भागवत, रामायण वाचून सांगपाक कळ्ळयार पुरो." म्हळें. ऐताळान, "तुका गडबड कसली

सरसोती? लच्चाक अय्यगळाल्या मठांत धाडपाक हरकत ना. पूण एक पांयार उकंड्यां बसोवप, वांकोवन रावोवप आनी चिंचे शिरटीचे मार खावप हे ख्यास्तींक लागून भुरगीं थंय चार दीसय टिकपाक शकनात'' म्हळें.

''कितें! शंकर आमगेल्या घरांतल्या भुरग्यांकय मारतलो!''

''ताका कोणालोय भुरगो जाल्यार कितें? पैर शीनमय्याल्या ओरटाक झाडार वांकोवन दवरिल्ल्या वेळार तो वयल्यान सकयल कांट्यांत पडलो. ही आकांताची खबर तुवें आयकली ना? शीनमय्यालो राग म्हूण उणो तर? मठांत वचून ''तुजो पांयच मोडटां'' म्हूण ताणें अय्यगळाक तापयलें खंय. ''तुज्या पुताक तूंच शिकय'' म्हूण ओरटाक ताणें मठांतल्यानच धांवडायलो . पूण आतां परतो तो चलो मठांत वचत आसा.करतलो कितें? दुसरे कडेन शिक्षण घेवपाचें आसल्यार मण्णूर मठांत वो न्हंय पलतडेक आशिल्लें सरकारी शाळेंत वचपाक जाय. व्हाळा पलतडीं सदां वचून येवप ल्हान भुरग्यांक कशें साध्य जायत?''

''तशें जाल्यार उजो लागूं ताका. तें बरप ना जाल्यार तितलेच गेले. बरोवन वाचून कितेंच जावपाचें ना. तें सगलें सावकाराल्या भुरग्यांक. हाका तुजे भशेन आठ अष्टक कळ्ळयार पुरो. तुजे उपरांत भटपण करपाक कोणतरी जाय न्हय?''

त्या दिसाचीं उलोवणीं तितल्यारच थांबलीं. ''नवरात्रेक कांय ना म्हळयार तीन म्हयने आसात. आतांच कित्याक गडबड?'' ऐताळान वेळ मुखार धुकळ्ळो. पूण तांचें मन चड गोंदळांत पडिल्लें. आपल्या एकल्या एकसुऱ्या पुताक सरकारी शाळेंत धाडून कितें उपयोग जातलो? फाल्यां आपणा फाटल्यान भटपण कोण करतलो? ताजे परस घरांतच चारेक अष्टोत्तरां म्हणपाक शिकयल्यार तागेली मूंज बांदलें उपरांत आपणाभशेन बरे तरेन भटपण तरी करतलो अशेंय तांका दिसले. पूण मजगतीं तांचें मन जाय ते दीस मेरेन आनीक एका विचारांतय घुसपल्लें. ''वासदेव सावकारालो व्हडलो पूत कुंदापुरांत आतांच वकील जावन आयला आनी ह्या गांवांतले सगळे कक्षीदार ताजे कडेन मुंया भशेन रांगेन वचून पैसो ओतत आसात'' म्हळें तांणी आयकल्लें. ''म्हजो भुरगो लच्चण्ण वकील जाल्यार...?'' म्हळो भटान करचो न्हय तो विचार तें करपाक लागिल्ले. शिवाय लच्चान भटपण करचें तांकांय तितलें मनांत नाशिल्लें. कारण चांटयो घालपाकय कळनाशींल्लीं शीनमय्यालीं भुरगीं बेंगळूरांत वचून पोंशा पोंशांनी पैसो मेळयतात ते तांगेल्या दोळया सामखार दिसताले. त्या दुडवाक लागून शीना, शीनमय्या जावन मिरयता हें ते जाणा आशिल्लें. तो पुतांच्या बळार सावकार जाल्लो आसतना आपणाल्या पुताक लागून आपणाक कीर्त कित्याक मेळची न्हय? तागेल्या भुरग्यांनी थंय कॉफी कपां धुवन पैसो केलो जाल्यार आपणालो भुरगो इंग्लीश शिकून वकील जावन गांवांतच कित्याक पैसो जोडचो ना? हें सपन ऐताळ पळोवपाक लागले.

जाय ते दीस मेरेन हें गोड सपन तांकां पिशें लायत आशिल्ले. नवरात्र लागीं येत आशिल्लीं. शंकर अय्यगळ एक दिसा ऐताळागेर अचकित पावले. तेन्ना ऐताळ घरांत नाशिल्ले. शंकरान येवन ''घरांत कोण आसा?'' म्हूण विचारिल्ल्या वेळार सरसोती भायर येवन ''ते सांजे वेळार येतले... कोण अय्यगळ! या, बसा, तानेक दिवं?'' म्हूण विचारलें. अय्यगळान ''म्हाका आतां वेळ ना. मठांत वतना हांगा आयलों. फाल्यां विजया दसमी

येता न्हय? तुमगेल्या चल्याक पांच वर्सां पूर्ण जातात; आमगेल्या मठांत ताका घालपाक जातालें म्हूण एक उतर घालपाक म्हूण आयलों."

"हांवेंय अण्णाकडेन तशें म्हळळें. पूण अय्यगळांनूं, खरें काय फट कोण जाणा, मठ म्हळें तशें एका पांयार उकड्यां बसोवप, वांकोवन रावोवप, मारप हाका लागून भुरग्यांक भंय दिसता. आमी आतां मेरेन आमच्या लद्याक एकूय एक मार म्हूण दिल्लो ना."

"माये, कोणूय कितें कितें उलयतात. मण्णूरचो एक अय्यगळ आसा, ताका आपणाल्या मठांत कोडी वाठारांतल्यानय भुरगीं येवचीं अशें दिसता. ताणें अशी कितें तरी फटीची खबर पातळायल्या आसतली! कोण जाणा?"

"ही आमी कांय पळोवन सांगिल्ली गजाल न्हय. कोणेंतरी सांगिल्ली, आमी आयकल्ली... कितेंय जायना, तुमी चल्याक मारना जाल्यार जालें."

"तशें तागेल्या आंगाक हातच लायनासतना शिकोवप म्हाका जमचें ना. हांवें शिकतना म्हाका मारपाक म्हज्या मास्तराक आठ दिसांक एक चिंचेची शिरट लागताली. हांव ताज्या धांतल्या एका वांट्यानय मारना. एकूय मार दिनासतना रावल्यार मठाविशीं भुरग्यांक भिरांतच आसपाची ना आनी तांकां शिक्षणय येवचें ना. तापले बगर लोणी कडटा?"

इतलें उलयत, मुखार दवरिल्लें गोड खावन, उदाक सगळें पिवन "कितें? चल्याक धाडून दिवपाक तुमच्या भावाकडेन सांगश्यात मूं? विजया दसमीक मठांत आयिल्लें कोणय शिक्षणांत फाटीं म्हूण पडनात." म्हळें.

"सरकारी शाळेक अशें तरेचो बरो दीस बी म्हूण नासता? विजया दसमी बी लागना?"

"सरकाराक कसलोच मातयेचो दीस लागना. कार्कळांत एक शाळा आसा. खंयच्याय दिसा, खंयचेय तिथीक थंय भुरग्यांनी आयल्यार जाता. एकादस आनी उमाशेकय तांकां शाळा आसता. कुंदापूरचे सांते भशेन! तांचो फकत दिसांचो हिशोब. तुमगेल्या चल्याक थंय धाडपाचो विचार आसा काय कितें? थंय सगळे एक; घाणेकारालीं भुरगीं आनी बामणालीं भुरगीं बांकाचेर एक मेकांक चिकटून बसतात!"

"अशें काय कितें, अय्यगळांनू, आतां आमचो चलो थंय गेलो जाल्यार भटा भुरग्यांची आनी घाणेकाराल्या भुरग्यांची एकच पंगत?"

"सरकारी हिशोबच तसो! म्हज्या मठांत हांव बामणा बगर खंयच्याच मनीस प्राण्याक येवपाक दिना. 'अय्यगळांनू, आमगेल्या चल्याक दोन अक्षरां शिकयात' म्हूण त्या पेल्या शेताकडच्या नागप्पा शेट्टीन सांगून धाडिल्लें. 'शिकयतात तें शिकोवं दीत. पूण हांव न्हय तें जातीतल्यांक शिकयना' म्हूण हांवें-सांगून सोडलें."

"सरकाराक असली कसलीच पद्धत रीत ना काय कितें?"

"सरकारान अशेंच धा वर्सां केलें जाल्यार, फाल्यां नांगर-जोत धरपाक सकल्ले जातीचो कोणूच येवपाचो ना. उपरांत बामणांनीच कसपाक गेल्यार जालें."

शंकर अय्यगळ वेळ जालो म्हूण मठांत वचपाक थंयसून भायर सरलें. वतना "अण्णाक सांगून सोडात" म्हूण शिटकावन गेले. तशें धायेक घरांनी भोंवन, हांगा थंय चार-चार उतरां उलयत ते मठांत पावले. तांच्या घरांत जागो नुपुरो जाता म्हूण त्याच गांवांतल्या एका गिरेस्ताल्या तांदूळ कांडपाच्या आंगणांत आपणालो मठ ते चलयताले. आतां मेरेन तांचे शाळेंत तिनापरस उणी भुरगीं जालीं नाशिल्लीं; स परस तीं चडय जालीं नात. तरी

कन्याण, कोडी, पडुकेरे ह्या तीनूय गांवांक ते एकूच द्रोणाचार्य आशिल्ले भशेन आज कालच्या भुरग्यांक ते शिकयताले. आतां जे जाणटे जाल्यात तांकां तांचे बापूय नारायण अय्यगळ हांणी शिकयिल्लें. नारायण अय्यगळाले जिबे तोंकार शेचाळीस प्रसंग नाचताले खंय, तांचे शाळेत आठ-धा वर्सां घेतिल्ल्या कोणाकय ते धा वो बारा यक्षगान प्रसंग शिकयल्या बगर रावनाशिल्ले. त्या शिवाय परवड, दस्तेवज, दुडवांविशीं जाण आनी ताडपानार बरोवप हें येवपाकच जाय आशिल्लें. शाळेंतले भशेन पाटी आनी कागदार बरप बरोवन शारदेक तांणी भश्टायलें नाशिल्लें.

शंकर अय्यगळाक तितले प्रसंग जरी येना आशिल्ले तरी चलणुकेंत आशिल्ले मीनाक्षी कल्याण, कर्णार्जुन झूज, बभ्रुवाहन झूज, इंद्रकीलक येताले. शिवाय ते मृदंग बरे तरेन वाजयताले. भागवत रामायणाचो अर्थ सांगल्यार कानाक बरो लागतालो. तांगेलो आवाज बरो आशिल्ल्यान गांवांत भजना मेळ बसल्यार तांचे बगर सकाळ उजवाडनाशिल्ली. शंकर अय्यगळांत एक उणीव आसा ती सगळे जाणात- "तांगेलो मारपी हात मृदंगावेल्या हाता परसं खर" म्हूण. तशें कोणेंय तांकां तोंडार म्हळें जाल्यार, "हांवें बापाय कडसून कितले मार खाल्यात तुमी जाणात? सोपे तरेन येना ती विद्या! कंबर बागयतल्यांकच सरस्पत यश दिता' असो उपदेश ते करताले. "अय्यगळांनू, तुमी मारचें न्हय अशें म्हणनाः पूण मार चड जाल्यार भुरगीं उंडे झाडार लिपून बसतले, शिवाय मठांत येवचे नात." म्हूण सांगल्यार "घरच्यानय म्हजें भशेन तांकां पेटयल्यार उंडे झाडार ते वचपाचे नात, इतलेंच न्हय, तर उंडे झाडा लागींय ते पावपाचे नात. भुरग्यांक सवलत दिवची न्हय. आज मार खाल्यार फाल्यां गोड-धोड खावपाक मेळटलें." म्हूण सांगून तांचें तोंड बंद करताले. पूण भुरग्यांच्या मनाक हें पटोवप कठीण म्हूण ते नकळ आशिल्ले जाल्ल्यान तांच्या स शिश्यांक लागून मेळिल्ल्या स मुडी तांदळांरच तांकां समाधान मानचें पडटालें. वांगडा थोडे नाल्ल आनी शाकभाजी जरी आयली तरी घरचें शेत केलेबगर शंकर अय्यगळाचे पेजेचें चलप साध्य जायनाशिल्लें.

अय्यगळान सांगिल्लें आयकल्ल्या उपरांत जाय ते दीस मेरेन सरसोतीक सरकारी शाळे विशीं बरें मत ना जालें. 'बामणागेर जल्माक आयिल्ल्यान सरकारी शाळेंत शिकप म्हूण आसा?' ह्या विचारांत ती आशिल्ली.

रातीं ऐताळ जेवन बशिल्ले. थंय येवन "अण्णा, शंकर अय्यगळ आयिल्ले" म्हूण तिणें म्हळें. सहज लच्चाल्या फुडारा विशीं उलोवणीं जावपाक लागलीं. ऐताळ गंभीरतायेन विचार करून एका निर्णयाक आयले "शंकर अय्यगळाल्या माराक भिवन लच्चा चारच दिसांत मठांत वचपाचो बंद जातलो. शिवाय हाजे मुकार यक्षगानान आनी मृदंग वाजोवन भुरग्यांचो फुडार चलचो ना. पळय, हांव भटपण करतां; म्हाका कितलो मान मेळटा तो तूं जाणाच. हॉटेलांत चार पैशे जोडपाचो योग आयलो तसो सीनमय्याक कितलो मान मेळपाक लागलो हेंवय तूं जाणा."

"तशें जाल्यार, ताजे भशेन तुज्या लच्चाक खंयतरी हॉटेलांत धाडपाचो विचार तूं करत आसा काय कितें?'

"थूत! तें अन्न विकून केल्लो पैसो म्हाका नाका. ताजे परस म्हज्या पांच खांडी शेता उत्पन्नार कांय करनासतना ताजें पोट भरतलें. भटपण चलयल्यार कशीच अडचण येवपाची

ना.''

हीं उलोवणीं आयकत बशिल्ले पारोतीक अजाप जाल्लें. तांचें पांच खांडी उत्पन्न आसा म्हळें अशें तरेन तिका पैलेच पटी कळिल्लें. तशें आसत तर त्या गांवांत सगळयां परस गिरेस्त तींच आशिल्ली. त्या शिवाय आपणाल्या घोवा कडेन पैसोय आसा म्हूण ती आयकून जाणा जाल्ली. पूण ते कितलें म्हूण ती नकळ आशिल्ली. तें विचारलें जाल्यार ''बायलांक कित्याक ती उसाबर?'' म्हळे शिवाय ते रावनाशिल्ले.

भाव मुखार उलयना हें दिसताकच सरसोतीन, ''ओ अण्णा, शीनय्याली बडाय आनी व्हडपण घेवन आमी कितें करपाचें आसा? चल्याक घरांतच थोडें शिकोवचें अशें मत तुजें?'' म्हूण विचारले. थंय सत्यभामाय आयली. तिजें मन गोंदळिल्लें. तिणें जाय तो विचार केल्लो. आपणाल्या घोवाल्या उत्पन्ना विशीं पारोती परस ती चड जाणा आशिल्ली. आपणाल्या बापाय घरचो दरारोय ती जाणा आशिल्ली. ऐताळान दक्षिणा पुंजायत भोंवचे परस, पांयार पांय घालून बसले तरी सावकार म्हूण तांगेलें नांव गाजत अशें आपणाल्या बापायन म्हळेंय ती जाणा आशिल्ली. आतां नवरांत्रेचो पाडवो येतलो. विजया दसमीक शंकर अय्यगळालें शाळेंत आपणाल्या पुताक बळी दिवपाचो प्रसंग येत म्हूण दिशिल्ले तेन्ना साकून ती चिंतेस्त जाल्ली. ताका घरांतच दवरलें जाल्यार तो व्होडाम्मा भशेन 'गोरूं राखपाचें' सोडून हेर खंयच्याय कामाक उपकरचो ना. कशेंय जालें तरी तो आपल्या वांट्याक पैसाविल्लोच आसतलो म्हळी तिका भिरांत आशिल्लीच. ह्या कारणाक लागूनच ती थंय आयिल्ली. 'तांचे तांचे भितर तांणी थारावपाचें नाका. जल्म घाल्ले आवयक एक उतर उलोवपाक वाव आसपाक जाय' म्हळो विचार तिगेल्या मनांत घोळटालो. ''कसल्याकय ताकतीक नाका. लच्याल्या आज्याक एका उतरान विचारप बरें न्हय? जें आमकां हिताचें न्हय तें तो आमकां सांगपाचो ना'' तिणे म्हळें.

'चल्याल्या आज्या घरचो सल्लो घेवप म्हळयार आपणाल्या घराचेर अविश्वास दाखयिल्लें भशेन' अशें सरसोतीक दिसलें. तिणें ''जायत, तांकांच विचारात, फाल्यां ताका आज्यानच वाट दाखोवची पडटली काय कोण जाणा!'' म्हळें आनी ती थंयसून उठून गेली.

उलोवणें थंयच थांबलें. पुण न्हिदिल्ल्या वेळार घोव-बायलेन भासाभास केली. सत्यभामेक ऐताळान ''आमचो चलो वकील जाल्यार जाता. तहशिलदार, शानभोग वो खंयचोय सरकारी नोकर जाल्यारय जाता. त्या कामाचें मोल ह्या भटपणाक कशें येत?'' म्हूण आपणाल्या मनांतलें सांगलें. अय्यगळालो मठय नाका आनी घरचें शिक्षणय नाका. सरकारी शाळेंत धाडप म्हूण जालें. पडमुन्नूरच्या आज्याल्या घरा कडसून सरकारी शाळा लागीं आसा. आजोय लच्याक दवरून घेतलो. ''हांगाच चलो आसल्यार तो कित्याकच उपकरनासतना वचत.'' म्हूण तिणें आपणालो भंय उकतो केलो.

पावस वाऱ्याचो भार उणो जालो. पागपी व्हडीं दर्यांत वचपाक लागलीं. ऐताळांच्या घरांतल्यांनी भाद्रपद उमाशेचें समुद्रस्नानय केलें. शंकर अय्यगळ आपणाल्या उत्पन्नांत मुडी भर तांदूळ वाडटा काय पळोवपाक परत परत ऐताळागेर येतच आशिल्ले. ''विजया दसमी दिसा कशेंय जाल्यार चल्याक धाडपाक नाका?'' म्हूण तांणी घरांत येवन हट्टच धरलो. सरसोती तांचे कडेन उलोवपाचे भानगडेकच पडनाशिल्ली. ''ऐताळ चल्याक कार्कळचे शाळेंतच धाडटले काय कितें? आतां मेरेन सावकारांचीं भुरगींच शाळेंत वतालीं. आतां

भटपण करतल्यांनीय तांची फाट धरली?'' म्हूण तांच्या घरांत बसूनच शंकर अय्यगळ हिणसावपाक लागले. सरसोती ''अय्यगळांनू, तें सगळें आमकां कितें खबर? जल्माक घाल्लें कशें करतात तशें.'' म्हूण रागान म्हणत भितर गेली.

नवरात्रेंतच एक दीस ऐताळांनी आपणाल्या मांवागेर फावट मारली. मादप्पय्यान अत्यादरान 'ऐताळांनू, मांवालें घर इतलें पैस जालें? सुब्बी जाल्या उपरांत तीय आयली ना; तुमीय आयले नात,'' म्हूण हांसत म्हळें. ऐताळान ''चल्याल्या आज्याक विचारया म्हूण आयलों. चल्याक शाळेंत घाल्यार जातालें म्हूण सत्या म्हणटाली'' म्हळें. तेन्ना मांवान हांसत ''जावं ऐताळांचेय दोळे उगडले. ताका तुमी भटपणाचें शिकयतले काय अशें दिशिल्लें. तांची तांची इत्सा; चली दिले नंतर आमचें कितें उरता? तांचें तांणी थारावपाचें न्हय?'' म्हूण म्हळें. उपरांत ''आयच्या काळांत चार इंग्लीश उतरां कळटल्यांक मान आसा. तो मान अश्टोत्तर आनी भटपण शिकिल्ल्यांक मेळना.' म्हूण मांवान हांसत म्हळें.

मुखाल्लीं उलोवणीं जालीं आनी निर्णय बी घेतलो. ''लच्चा हांगा आजोळाच आसूं दी. आमचो चलो कसोय व्हड जालो; आतां ताका गांवचो शानभोग केला. आमकां घरांत बेजार वचपाक एक भुरगो जाय.'' म्हूण लच्चाले आजेचो विचार आशिल्लो. ''तो पांचवे यत्ते मेरेन हांगाच शिकूंदी. शाळा एका मैलाभितर आसा. कोडींतच उरल्यार दर दिसा न्हंये पलतडेन येवपाक जाय. येद्या ल्हान भुरग्याक तशें धाडपाचो नसतो खेळ करचो न्हय.'' अशें तिणें म्हळें. ऐताळांक खोस जाली. ''लच्चान थोडें इंग्लीश शिकल्यार पुरो. देवान तितलें केल्यार ताणें आमचे भशेन रात दीस माती, चिखोल बी माडोवचो प्रसंग येवचो नाका'' तांणी म्हळें.

''म्हजेय तेंच मत. म्हज्या चल्यान चड शाणो जावन अर्दारच शाळा सोडली ना जाल्यार आज एक वकील जातालो. आतां जालें तरी ताका कळटा ते इंग्लीश उणें ना. पैर तहशीलदार सायब आयिल्ल्या वेळार तांचे कडेन वचून तोच उलयलो खंय. तांचे शिफारसीन ताजी शानभोगकी कायम जाल्यारय जायत.'' मादप्पय्यान म्हळें. आपणालो मेवणो तहशीलदार सायबाकडेन इंग्लीश उलयलो म्हळळी अजापाची खबर कळून ऐताळांक सर्गाक हात लागिल्ल्याची खोस जाली.

''जावं, तशेंच करचें बरें. आदीं लच्चा कितें म्हणटा चें पळोवपाक जाय न्हय. ताका व्होडाम्मा फाटल्यान रावपाचीच संवय. आतां तें सगळे सोडून हांगा आजोळा रावपाक तयार जाता काय ना कोण जाणा! सत्यभामा बाळांतपणाक आयिल्ली तेन्ना तुमी पळयलाच'' ऐताळान म्हळें.

'भुरग्यांचें मन तें; चार दिसांत तें सगळें विसरतलो. हांगा ताजी आजी आसा न्हय?' मादप्पय्यान म्हळें.

त्या दिसा सांजे ऐताळ घरा वतना तांका जाल्लीं खोस इतली आनी तितली न्हय. आपुणच चलो जावन, तहशीलदार जावन, संसार सगळो आपणें पांयापोंदा माडयिल्ले भशेन तांगेलें मन खोशेन नाचतालें. ते न्हंये आलतडेन येतना रंगरंगीत कुपां एका फाटल्यान एक मळबांत येतालीं. हांसपी उदका लोटाचीं पाळां सूर्या किरणां पडिल्ल्यान तरसादीचे पातयेभशेन लकलकतालीं आनी ना जातालीं. न्हंयचें उदाक खूब खोशेन ओतून व्हांवतालें आनी सागराचो उमो घेतालें. तें सगळें पळयत पळयत, मळबांतच सुंदर सोबीत रंगयाळें घर

बांदत ते मुखार वताले. व्हडेकारान आलतडी पावतकर 'रायांनू कोडी आयलें, उतरात.' म्हण मेरेन ते सपनांतच धुंवताले. तें देवलें. "हां, कितले बेगीन पलतड आयली! " म्हूण हांसत तांणी पांय मुखार घालो. तांच्या हांश्या वांगडा उदका ल्हारांय हांसतालीं. ऐताळ खुशालभरीत जावन मुखार वचपाक लागले.

घरा लागीं पावतना तांकां सत्यभामेची याद जाली. तिजे खातीर आपणें बरी खबर हाडल्या म्हूण तांचें मन खोशेन धोलतालें. पूण भयणीक तोंड दिवपाक जाय म्हळीं भिरांतय वांगडा आशिल्ली. ताज्या वांगडा लच्चण्णान आपणालो विचार मातयेभरवण केल्यार कशें जायत म्हळीय भिरांत आशिल्ली. लच्चण्णाक व्होडाम्माचो विरह सहन जावप खूब त्रासाचें जातलें. सुरवातेक दर शेनवार आयतारा ताका घरा आपोवन हाडचें पडटलें म्हूण तांकां दिसलें. हो विचार करता आसतनाच घरचो देणपो आयलो. उदकान भरिल्लें तळें चार वांवार आशिल्लें. थंयसून बेब्यांचो'टोर, टोर' आवाज येत आशिल्लो. त्या आवाजा सुरांत ऐताळांनी 'गुरुर्देवो गुरुर्विष्णु' जप म्हणपाक सुरवात केली. तांचो मंत्राचो आवाज घरा मेरेन पावलो. घरांतल्यानच लच्चान 'बाप्पा' म्हूण उलो मारलो. लच्याक घेवन सत्यभामा थंय चान्र्यांतच आयली. आपणाल्या कुळारचो निर्णय आयकुपाची तिका ताकतीक आशिल्ली. ऐताळांक आपणाल्या 'ओम् तत् सवितुर्वरेण्यं' चे मर्दी मर्दी तिज्या एकेक प्रस्नाक जाप दिवची पडली. सगळें आयकल्या उपरांत आपणाले विचारच खरे जाले म्हूण तिका खूब खोस जाली. लच्चाक मोगान हांडीर घेवन "लच्चण्ण, तूं शाळेंत वतलो. शाळेंत वचून शाणो जावपाक जाय" म्हळें.

घरांत सगळयांचें जेवण जालें. हातुळण घालपाक लच्चण्णान व्होडाम्माक सांगलें. तिणें ताजी न्हिदपाची वेवस्था केली आनी आपूण भितरलें काम करपाक म्हूण गेली. उपरांत न्हिदपाचो वेळ जालो म्हूण सरसोती आनी पारोती सदांभशेन कवळो सोडोवन न्हिदलीं. सरसोतीन ल्हवूच आवाजांत "पारोती, तुका कितेंय कळ्ळां? लच्चाल्या आज्यागेरच्यान खबर कसली आयल्या?" म्हूण विचारलें. तिणें "म्हाका कशें कळत? चल्याक अय्यगळाल्या मठांक धाडूं वो शाळेत धाडूं, दोनय एकच. शाळेंत गेल्यार आमकां सदां दोन न्हाणां जास्त घेवपाक वेळ मेळटलो." म्हळें. तो वेळ मेरेन दोळे धांपून पडिल्लो लच्चण्णा 'व्होडाम्मा, आम्मा म्हणटाली, हांव साळेंत वचून शाणो जातलो खंय! हय गे, व्होडाम्मा? शाळा खंय आसा?" म्हूण विचारपाक लागलो. "हेत चोरा! तुका न्हीद अजून आयली ना!" म्हूण व्होडाम्मान ताका थातारलें.

जालें, तांकां जाय आशिल्ली खबर मेळली. हे विशीं चोरडा फुडें उलोवचें न्हय म्हूण तीं ओगी जालीं. ताका न्हीद लागल्या उपरांत उलोवन न्हिदया म्हळयार हांकाच न्हीद लागली.

नवरात्रेचे चार दीस जावन पांचवो दीस उजवाडलो. शंकर अय्यगळ आनीक एक पंता ऐताळांक सोदपाक घरा आयले. न्हावन भटपणाचें काम करपाक ऐताळान भायर सरचे पैलीच तांकां धरचे म्हूण ते आयिल्ले. इतले त्रास घेतल्यार खंयतरी एक मुडी तांदळाची वेवस्था जायत म्हूण अय्यगळ ऐताळांक येवन मेळले. "ऐताळांनू, हे विजया दसमीक तुमचो लक्ष्मीनारायण आमच्या मठाक येतलो न्हय?" म्हळें. ऐताळांक मुखाल्लो वायदो सांगपाक आतां तोंड येना जालें. "शंकर अय्यगळांगू, तुमी आयिल्ले बरें जालें. पूण हें पळयात, हे विशीं भुरग्याल्या आज्याक विचारले बगर हांव कांयच करपाक शकना. तुमकां

कितें तरी निश्चीत निर्णय सांगपाक जाय म्हूण हांव थंय वचून आयलों. आमच्या चल्याक पडुमुन्नूराक धाडपाक जाय म्हूण मांवान सांगलां. आमचे घरकान्नीचेंय तशेंच मत आसा".

"कितें, थंय बरो मठ आसा?'

"थंय लागींच एक सरकारी शाळा आसा. थंय तो वतलो. ताका थोडें इंग्लीश शिकोवया म्हणटात."

"कितें? हें इंग्लीशाचें पिशें भटपण करपी तुमकांय लागलें? ऐताळांनू, तुमी ताका घरांतच शिकयल्यार हरकत ना. न्हयनस्त्या जातींचे भुरगीं येवपी सरकारी शाळेंत धाडपाचे न्हय. थंय खंयचेय पाड जातीचे येतात. आतां आमचे कार्कळचे शाळेचें पळयनात? एक नवो मास्तर आयला खंय. म्हार काय चांभार कोण जाणा! बामणा भुरग्यांनी ताजे हातचे मार खावप म्हळयार काळ खंय पावला म्हणचो?"

पैसल्यान सरसोती उलोवणें आयकत आशिल्ली. पूण लागीं आयली ना. येवपाची इत्साय नाशिल्ली.

"तितली खबर घेनासतना चल्याचो आजो ताका येवपाक सांगचो ना. थंयचो मास्तर बामणच आसतलो. हांगा दुसरे जातीचो मास्तर आयलो म्हूण गांवची शाळा नाका म्हूण सोडली. शिवाय ते शाळेंत बामणाचीं भुरगीं वेगळयाच बांकार बसतात खंय. थंय तुमच्या मठांतलेवरी भुरगीं जमनीर बसनात" म्हूण ऐताळान म्हळें.

"हें पळयात ऐताळांनू, ते शाळेंतले भशेन म्हाका एक लाकडा माची हाडपाक जायना? माचयेर बसून खेळ पळोवपाक तो किते दशावतार तर?" अशें शंकर अय्यगळान म्हळें आनी मुखार सांगलें. "तें सोडात. मुखाल्लो विचारय तुमकां ना हें अजापाचेंच म्हणचें! हांव म्हज्या स्वार्था खातीर म्हणटा अशें समजूं नाकात."

"शंकर अय्यगळांनू, आमचे सत्यभामेक बाविसावें वर्सच लागलां. नरसिंव देवान मनांत घेतल्यार दुसरो चलो जातलो. ताणें म्हजे फाटल्यान भटपण केल्यार पुरो. मन लावन तीन वर्सां यल केल्यार ही विद्या आयल्या बगर रावता?"

"तशें जाल्यार लक्ष्मी नारायणाक वकील करपाचो तुमचो इरादो आसा?"

"देव कशें चलयता तशें. गांवच्या सावकारांनी ताका हो एक स्राद्ध चलोवपी भट म्हूण म्हणना जाल्यार जालें" म्हळें. उलयत बसून शंकर अय्यगळा कडेन वाद घालपाचें नाका म्हूण दुसऱ्या कामाचें निमित्त सांगून ऐताळ थंयसून कडसरले.

शंकर अय्यगळाक वायट दिसलें. ते वचपाक लागले. तांकां सरसोती मुखारच दिसली. "आयकलें न्हय, तुमच्या भावाची येवजण! भटा बामणानय इंग्लीशा फाटीं लागून जात-पात सोडप म्हळयार..." म्हळें. "हांव कितें जाणां? तांकां कळटा तशें ते करतात." बेजारान म्हणत ती थंयसून गेली. शंकर अय्यगळ सामकेच निराशेचे घरा परतले. "हांवें चार माचे करून चार जातीच्यांक एकठांय हाडपाक शिकचें पडलें. वाणी जाल्यार वाणी; भट जाल्यार भट! एका गोठ्यांत सगळया भुरग्यांक चरोवप!" तांणी निराशेचे उद्‌गार काडले. 'नारायण अय्यगळाल्या काळांत माटोव भर भुरगीं येतालीं. म्हाका स भुरगींय कायम करपाक जायनात. ह्या बामणांचेर भरवसो दवरून फसलों. त्या बदला आवारांतल्या मोगेर भुरग्यांक शिकयल्ले जाल्यार पंदरा-वीस मुडी तांदूळ तरी मेळटले आशिल्ले." म्हूण गुणगुणत ते गेले.

नवरात्र जाली. ऐताळांक नवरात्रेची वेगळी पूजा ना. मूळा नक्षत्राक पुस्तकां पूजा जाली

म्हणटकर ते मोकळे. पुण मूळा नक्षत्राचे सुरवातेकच सत्यभामेल्या आगऱ्याक लागून तिका पडमुन्नूराक धाडलें. तिणें गोड उतरांनी आज्यागेरच्या खाचक्याचें वर्णन लच्चा कडेन केलें. म्हणटकच तो तिज्या वांगडा वचपाक भायर सरलो. वतना ताणें व्होडाम्मा कडेन "व्होडाम्मा, आज्यागेर वचून येतां," म्हळें. तिज्या दोळयांतल्यान उदका धार व्हांवली. "कित्याक रडता तूं व्होडाम्मा?" लच्चान दुखेस्त जावन म्हळें. "अशेंच, अशेंच" म्हूण जाप आयली.

"व्होडाम्मा, बेगीं परतो येतां. येतना तुका लाडूं, उंडे घेवन येतां." "जायत पुता" रावपाक जायनासतना ताका वेंगेंत घेवन खोळशेवन रडत तिणें म्हळें.

तिणें रंडचें पळोवन लच्चाण्णान "तूं रडता जाल्यार हांव वचच ना. तुज्या वांगडा हांगाच रावतां." म्हळें.

ताणें तशें केल्यार आपूण चड त्रासांत पडटली म्हूण सरसोती आनी पारोती जाणा जाल्लीं. ताका फुसलावन ताजें मन तयार करून ताका पडुमुन्नूराक धाडचें पडलें. वतना लच्चान बापायक "बाप्पा म्हाका हाडपाक फाल्यां तूं येतलो न्हय?" म्हूण विचारलें. 'जायत' म्हूण ऐताळांनी जाप दिली.

विजया दसमी आयली. त्या दिसा ऐताळ कोडीसाकून पडुमुन्नूराक गेलेच. लच्चाक त्या दिसा बेगीन न्हाणोवन विद्याभ्यासाचें शास्त्र तांणीच केलें. मास्तराक आपोवन पाटी आनी काडयेची दिक्षा लच्चाक दिली. जाय तो वेळ मेरेन लच्चान पाटयेर गिरयिल्लें पळोवन आज्याक खोस जाली. दुसऱ्या दिसा दासप्पय्या मास्तर लच्चाक शाळेंत व्हरपाक आयले. "लच्चण्णा, भोंवपाक वचया. आमगेले शाळेंत तुजे भशेन खूब भुरगीं येतात" म्हूण ताका फुसलावन व्हेलो. बापूय पुता वांगडा शाळेमेरेन गेलो. थंय बांक, खुर्ची, बोर्ड बी पळयिल्ल्या ऐताळांक आपणाल्या चल्यान हांगाच शिकल्यार तो मुन्सीफ जातलोच म्हूण भरवंसो दिसलो.

अर्दवर बसून 'अ आ' बरयिल्लो लच्चाण्णा "बाप्पा, शाळा पुरो; व्होडाम्मा आशिल्ले कडेन वचया" म्हणपाक लागलो. ताणें आनी थोडो वेळ थंय बसचें म्हूण ऐताळान यल केलो. पूण ताजो उपयोग जायना जातकच ताका घेवन आज्यागेर गेले. त्या दिसा चल्याचो दोळो चुकोवन ऐताळांक कोडीक येवचें पडलें. ते रातभर लच्चाण्णाचे हाल सांग्चे न्हय. बापूय आपणाक सोडून गेलो म्हूण ताका वायट दिशिल्लें. पूण तागेले आवयन "हांव ना तर हांगा?" म्हळें. ताका ज्रा समाधान जालें. दुसऱ्या दिसाय दासप्पा मास्तरा वांगडा ताका शाळेंत वचचें पडलें. एका सप्तका उपरांत सत्यभामाय घोवागेर आयली. आवय आनी बापूय आपणाक फटोवन गेलीं म्हळळो विचार लच्चाल्या मनांतच उरलो. शाळेंत वचप, अ-आ बरोवप, वेल्यावयर व्होडाम्माली याद येतकच आपुण न्हय थंय येवन शिरकलों म्हूण रडप अशें करत तागेले सदचे दीस सरताले.

एक दीस लच्चण्णा बापायक सोदूंक म्हूण शाळेतल्यान धांवलो. रेंवेच्या त्या व्हड राज्यात वाट चुकून खंय तरी पावलो. आज्या-आजेक खूब हुसको जालो. दासप्प मास्तराक गांवभर भोंवन सांजे ताका सोदून हाडचें पडलें.

लच्चाल्या मनाक समाधान दिवप आजेक वा आज्याक साध्य नाशिल्लें. निमाणें तांणी एक वेगळीच युक्त काडली. दासप्पय्या हे मुल्कीचे. तांचें घर पैस आशिल्लें. तांकां खंय

तरी रावपाची वेवस्ता करून घेवपाक जाय आशिल्ली. राती तांणी उडुपींत जेवपाची वेवस्था केल्ली. दनपारचे आपणाल्या एकेका शिश्यागेर जेवपाक वचपाक लागले. आतां मादप्पय्यान तांकां "मास्तरांनू, आमगेल्या नातवाक शिकयात आनी दोनूय वेळा हांगाच जेवपाक रावात" म्हूण सांगलें. तांकां हें एक मांवालें घरच मेळिल्ले भशेन जालें. तेन्नसाकून लच्चाली तोखणाय करप तांचें सदचें काम जालें.

'मादप्पांनू, तुमच्या नातवा इतलो हुशार भुरगो दुसरो ना...' 'आज पन्नास शंभर मेरेन सकल्ल्यान वयर आनी वयल्यान सकल मेजपाक शिकलो...' 'आज धाची परवड तोंडपाठ केली.' अशें तरेन सदांच ते ताजी स्तुती करत रावले. तांचीं उलोवचीं उतरां सोडलीं तरी लच्चण्णाक मोग करपी एक मास्तर मेळ्ळो हें मात खरें. हेर भुरग्यांक दिसाक एक तरी बडी दिवपी दासप्पा मास्तर लच्चाविशीं मोग दाखयताले.

लच्चा घरा पावतकच ताजे आजेचो उमाळो उफेवन भायर सरतालो. ह्या नव्या वातावरणांत तीन म्हयन्यांभितर लच्चाली पोरणीं सपनां ना जायत गेलीं. आज्यागेरच्या खाण जेवणाक लागून तो व्होडाम्मालो मोगय विसरत गेलो आनी लच्चा आजेलो मोगाचो नातूं जायत गेलो. दोनतीन पटी मांवागेर आयिल्ल्या वेळार ऐताळान "चार दिसां खातीर घरा येता?" म्हूण विचारल्यार इश्टांले आनी आजेले ओडीक लागून ताणें 'येना' म्हूण जाप दिली.

O

12

कोडींतल्यान पडुमुन्नुराक वचून लच्चा शिक्षण घेता म्हळ्ळो विशय गांवांतल्यांक मस्करी करपाक बरो मेळ्ळो. शंकर अय्यगळान आपल्या मनांतलो राग सगळो गांवातल्या लोकां मुखार ओंकून जाल्लो. इतलेंच न्हय, तर शीनमय्यालो आधार घेवन "ऐताळांनी भटपणाचो धंदो सोडपाचो मात्त उरला. शीवळ्ळी जातीची चली हाडून जाली. जात होगडावपी शाळेंत चल्याक धाडून जालें." म्हळ्ळो प्रचारय केल्लो. सरसोती" शाळेंतलें तसलें शिक्षण नाका आशिल्लें. पूण 'तांच्या तांच्या भुरग्यांचो तांणी तांणीच विचार करपाचो" म्हूण ते भानगडेक पडली ना.

हे मजगतीं लच्चान आपलें मुळावें शिक्षण चालू दवरिल्लें. सुरवेचे दोन तीन म्हयने तो उदकांतल्यान काडिल्ल्या नुस्त्या भशेन जाल्लो. पूण सावकाश आज्या आजेलो मोग, दासप्पा मास्तराली तोखणाय, हेरां परस आपणाक मेळता ती चड सवलत पळोवन पडुमुन्नूर आपणालें घर म्हूण तो समजलो. रजेंत गांवांत वचून येतालो. चुकून येवपी चल्याक घरांत वयलेवयर करताले. व्होडाम्माल्या मोगाक लागून केन्ना केन्नाय "हांगा रावया" अशेंय ताका दिसतालें. पूण रजा सोपून शाळा सुरु जाली तशें हेर वांगड्यांची याद जावन "आज्यागेर म्हाका पावय" म्हूण बापायक सांगतालो. चारपांच वर्सांत ताणें पडुमुन्नूरचे शाळेंतलें शिक्षण पूर्ण केलें. रजेंत तो घरा आयलो. ऐताळाल्या मनांत विचारचक्र फिरपाक लागलें. 'इतलें सगळें केलें, आतां चल्यान मुखार कितें करप?' म्हळ्ळें तांकां कळना जालें. तेवटेन आज्या कडसून 'चल्याक माती फोडपाच्या कामांत घालचें नाका; तुमकां अनुकूलताय नासत जाल्यार हांव ताका हायस्कूलांत घालतां.' म्हूण सांगणी आयली. कुंदापूर, उडुपी, मंगळूर गांवांत इंग्लीश शाळा सुरु जावन, गिरेस्तांचीं भुरगीं थंय वचपाक लागिल्लो काळ तो. वकील, तहशिलदार बी जावपाक जाय म्हूण थंय धाडल्यार जातालें अशें आपणाल्या भुरग्यांविशीं विचार करपाचें युग तें आशिल्लें.

ऐताळांक तर उभयसंकट जालें. लच्चाक धा वर्सां पिराय जाल्या. ताजी मुंज बांदपाची आसा. ताजे भयणीक सातवें सरलां आनी आठवें लागलां. जातकांत जरी आशिल्लें तरी तिसरें भुरगें सत्यभामेक जालें ना. सरसोतीन "अण्णा, लच्चान शिकिल्लें पुरो. थंय पडुमुन्नूरच्यान पिशें लागिल्ले भशेन इंग्लीश बिंगलीश म्हळयार तूंवय तसोच नाचपाक लागनाका. फाल्यां तें घराण्याचें काम सोडपाक जायत? ह्या कुटुंबांतल्यांचेर अवलंबून आशिल्ल्यांची गत कितें? तांगेर भटपण कोण करतलो? लग्न, स्राद्ध जाल्यार तुजे नंतर वतलो कोण..," म्हूण गवजी घाली. ह्या प्रश्नाक सत्यभामेकडेन कसलीच जाप नाशिल्ली. राम ऐताळाल्या घराण्यांत भटपण ताच्या वांगडाच ना जावचें न्हय. तशें जायत तर मुखार कितें? त्याच वर्सा शीनमय्या सावकाराक कोक्करणेत जाल्ल्या लग्नाचें आपोवणें येवन, राम ऐताळाक सांगणेंय येनासतना आशिल्ल्यान हांचो अपमान जाल्लो. हाका लागून तांच्या

मनांत "ह्या भटपणाक मान ना. तोंडा मुखार 'ऐताळांनू... ऐताळांनू' म्हणत वांकले तरी फाटल्यान 'दक्षिणे खातीर भोंवपी भट' म्हूण हिणसायतात म्हूण तांकां वायट दिसतालें. आतां शीनमय्यालें हिणसावप आनी ताका शंकर अय्यगळान फोण्ण घालप चड जायत गेल्लें. अशा वेळार सगळयां सामखार आपणें मात्याक तुरो खोंवन मिरोवपाक जाय म्हूण ऐताळांक दिसपाचो तो काळ आशिल्लो.

भयणिल्या प्रश्नांक ऐताळा कडसून जाप दिवपाक जायना जाली. "आतांच तो सगळो विचार कित्याक? ताका मुंज बांदले बगर खंयचोच विचार नाका. ह्या वर्सा ताका गुरु बळ बरें आसा. देवाली इत्सा आसल्यार तो रजेंत आयिल्ल्या वेळारच मुंज करया" म्हूण तांणी म्हळें. हें सुचोवणेक घरांतल्या सगळयांचो तेंको आशिल्लो. "एक्रच चलो, मुंज दबाज्यान जावपाक जाय" म्हूणय थारायलें. वैशाख म्हयनो आयलो. लच्याले मुंजेची तयारी जाली. मागशीं ऐताळाल्या लग्नाक घाल्लो तसलोच माटोव आंगणांत तयार जालो. हे फावटीं आधार दिवपाक शीनमय्याक ऐताळान आपयलें ना. उलट शीनमय्याक पळयल्यार ज़ाका उस्तुरें वता त्या सुब्राय उपाध्यायाक जेवणाची वेवस्था करपाक घरा आपयलो. आपोवणें दिवपाक सगळे कडेन आपुणच वचून आयले. शीनमय्यागेर वचून "आमगेर येनासतना रावचें न्हय" म्हूण सामकीच आत्मीयताय आशिल्ले भशेन आग्रहान सांगून आयले. हे वटेन मुंजे दिसा पडुमुन्नुरचे मादप्पया आनी तांचे घरचे सगळे चार दीस रावपाचे तयारेन आयले. पूत व्हड जावन मोग करपाक घरांत ल्हान भुरगो कोण नाशिल्ल्या कारणान ह्या नातवाक हाता वयल्या फोडाभशेन मादपय्या सांबाळटाले. घरांतल्यान चड करून केन्नाच भायर पडनाशिल्ले ते ह्या वेळार कोडींत चार दीस रावपाक आयिल्ले. मुंज्याक खोस जाल्ली ती सांगची न्हय. व्होडाम्मा, बापूय, आजो, आवय सगळीं ताजीच तोखणाय करतालीं. मुंज तर सामकी दबाज्यान जाली. पडुमुन्नूरच्यांनी आगरो केल्ल्यान उडुपीचे सरकारी अधिकारीय आयिल्ले. रजेंत कोर्ट बंद आशिल्ल्यान ऐताळाल्या नात्यांतलो एक वकील नागप्पय्या बी पाविल्ले. मुंजे दिसा जेवणा वेळार आंबोडे, पून्नपोळी, शिवाय दोन-दोन तरेचीं पक्वान्नां केल्लीं. सगळयांक परते परते आगरो करून वाडपाक सरसोतीन सांगिल्लें. मागशीं रामाल्या लग्नावेळार शीनमय्याल्या कारभाराक लागून जेवणावेळार जाल्ली गडबड ती विसरूंक नाशिल्ली.

आतां आयिल्ल्या सोयऱ्यांक आदर सत्कार उणो जालो ना. आयिल्ल्यां कडेन उलोवपांत शीनमय्यापरस सुब्राय उपाध्याय बाबत नाशिल्ले. तांणी वकिलाक आनी आयिल्ल्या अधिकाऱ्यांक वयल्यावयर केलें. शीनमय्या सावकारा वांगडा तीन भांगरा मुदयो आनी जाड सरपळी घालून बशिल्ले जरी आशिल्ले तरी सुब्रायान तांचे कडेन खास अशें लक्ष दिलें ना. तरी पूण दोन दोन पटीं ऐताळान येवन "सगळें समा जालें न्हय; हें तुमचेंच घर" म्हळें. फाटले वळखीक लागून मादप्पय्याय तांचे कडेन बरे उलयले. तरी शीनमय्याक आपले बरोबरचो वासदेव सावकार थंय दिसूंक नाशिल्ल्यान मनाक समाधान जालें ना. ते कित्याक आयले नात म्हूण उपरांत एक दीस तांणी चौकशी केल्ली. "आमचे कोक्करणेंत जाल्ल्या लग्नाक आपोवणें दिलें ना म्हूण ताणें तशें केलें आसतलें." म्हूण वासदेव सावकारान म्हळें. "ताणें आपयलेंय जाल्यार तसल्या आशेखोरागेर जेवपाक हांव वचन?" म्हुणय तांणी व्हडपणान म्हळें.

मुंजे दीस सोंपलो. आयिल्ले अधिकारी गेले. कुंदापूरचो वकीलय गेलो. दोन-तीन दिसांनी मादप्पय्या वचपाचे आशिल्ले. "लद्यान मुखार कितें शिकचें तें ठरोवन वचात." म्हूण सत्यभामेन बापायक सांगलें. मादप्पय्यान "सगळें कितें हांवेंच सांगपाक जाय? जें कितें सांगपाचें आसा तें हांवें सांगून जालां. लद्याविशीं दासप्पय्या मास्तरान सांगिल्लें आयकुपाक जाय? 'आतां मेरेन असलो बुदवंत भुरगो शाळेंत आयलो ना' म्हूण ते म्हणटात. ही सगली बुदवंतकाय शांती, होम करपांतच सोपोवप? आतां दिसांनी तहशिलदार, वकील जाल्यार मेळटा ते व्हडपण, मान आनी कित्यांत आसा? धा वर्सां इंग्लीश शिकल्यार तो चार कुंभ जमीन घेतलो. हें भटपण घेवन बसल्यार मानय मेळचो ना." म्हळें.

सरसोतीक आतां ओगी रावपाक जालें ना. "तुमी व्होडपण, मान बी म्हणटात ते बरें आसा. पूण फाल्या अण्णा फाटल्यान भटपण कोण करतलो?" म्हळें. "करना जाल्यार जावचें लुकसान कितें? गांवांत दुसरे कोणूय करपाचे नात?" म्हूण तांणी म्हळें. "तें सोडा, म्हज्या जातकांत तीन चले भुरग्यांचो योग आसा. आनी भुरगीं ह्या घरांत जावपाचीं नात अशें तुजें म्हणणे?" ऐताळान विचारलें.

"हय, आनी तीन न्हय, तिनशीं चोरडां जातलीं तुका. पंचावन्न वर्सां पिराय तुका जाल्या हें तूं विसरलो? म्हाका कितें? इंग्लीश बिंग्लीश म्हळयार शिकपाक पैशे नाकात?"

"आज इतले पैशे ओतल्यार फाल्यां चार पटीन पैशे येतले. ते गरय घाल्ल्या भशेन. गरय घालपाक भियेल्यार नुस्तेंच लागपाचें ना." ऐताळान युक्तिवाद घालो.

"सरसोतीबाय, तुमी पैशे-बियशे म्हणत बसपाची गरज ना. नातवाचेर हांव कितलोय पैसो खर्च करपाक तयार आसां. म्हजो चलो अर्दारच इंग्लीश सोडून बसलो म्हळळीच म्हजीं खंत. हाणें इंग्लीश पूर्ण केल्यार दोनूय घराण्यांक व्होडपण मेळटलें. आज तुमचे मुंजीक अधिकारी आयिल्ले न्हय, ते खंयच्याय गांवांत गेल्यार तांकां कितलो मान मेळटा तुमी जाणात?" मादप्पय्यान म्हळें.

"तितलेंच कित्याक? हे रजेंत कोटा गांवांत आयिल्ले कुंदापूरचे वकील अजून परते गेले नात. तांकां वता थंय जेवण, खाण आनी समारंभ. घरा आपोवन जेवण खाण दिवन तांची सरबराय करनाशिल्ले कोणच नात."

दादले सगळे अशे तरेन लद्याल्या उजळ फुडास खातीर चिंतता आसतना "म्हाका कित्याक लागता बायलमनशेक? ते सरकारी शाळेत धाडिल्ल्या वेळारच न्हयनसती वाट धरत आसात म्हूण कळिल्लेंच. तुमकां ताणें इंग्लीश शिकिल्लें जाय जाल्यार म्हाका कितें?" सरसोतीन म्हळें. मुंजे उपरांत मादप्पय्या गांवा गेले.

सरसोती भावाक भितर आपोवन घेवन "अण्णा, ताणें मुखार शिकचें म्हूण जालें; जावं दी. पूण ताका आज्याल्या रिणांत दवरनाका. तांणी पैशे दिवचे खरे. पूण तुज्या पुताल्या शिक्षणाक तुवें तांचें तोंड पळोवप बरोबर न्हय. आमकां हांगा एक वेळ जेवपाक मेळळयारय जाता. पूण तुज्या खर्चांतच शिक्षण जावं दी. फाल्यां शीनमय्या सारके 'तुमगेल्या पुताक भीक मागून इंग्लीश शिकोवपाक जाय आशिल्लें?' म्हूण हिणसायतले." म्हळें. ऐताळाक हें उलोवप योग्य दिसलें. "सरसोती, तूं कितें म्हूण समजलां? तांणी सांगलें म्हूण हांव म्हज्या पुताक तांगेल्या रिणांत दवरचों ना. ताका कुंदापुरांत धाडपाचें केलां."

"खर्चाचें कशें करतलो?"

"कितें म्हूण केलां तुवें? आज पांच स हजारय नात काय कितें म्हजे कडेन?" म्हूण तांणी अभिमानान म्हळें. सरसोती ओगी रावली. तिका पूर्ण समाधान जाल्लें. भावा कडेन इतले पैशे आसात म्हूण तागेल्याच तोंडांतल्यान तिणें पयलेच पटी आयकल्लें. तार्पे पांच स हजार म्हूण सागलां. ताजे कडेन अर्द तरी उरलें बगर रावचे नात म्हूण तिका दिसलें. गांवाक कितें काय म्हळळी खबर जरी नाशिल्ली तरी ऐताळाकडेन तांणी तोंडान सांगिल्ले परस दोन पटीन दुडू आशिल्ले ही खरी गजाल आशिल्ली.

लच्चण्णाली गिमांतली रजा खूब बेगीन सरली. मुखार ताणें इंग्लीश शिक्षणाची तयारी केली. ताजी खोस सांगची न्हय. कोंडींतले आवार माडयत, शेजाऱ्यांगेर भोंवत, आपणालीच ख़बर सांगत ताणें दीस सारिल्ले. एकेक पटी शीनमय्यागेरय तो वतालो. तांगेलो पांचवो चलो आनी हो एके पिरायेचे. ताकाय त्या वर्साच मुंज बांदिल्ली. हाका लागून वेळ मेळटा तेन्ना हो ताच्या वांगडा आवारांतल्या उंडी झाडांच्या भाटांत खेळटालो. मदीं मदीं तांका येतात ते जप, संध्यावंदन, होमावेळार म्हणचेले मंत्र म्हणत सर्त खेळटाले. तो चलो शंकर अय्यगळाल्या मठांत वचपी. ताजें नांव ओरटा. स्वभाव नांवा प्रमाणे मुडदाड आशिल्लो. ताच्या वांगडा आजेल्या मोगात वाडिल्ल्या लच्चण्णाली सर्त लागताली. मंत्र म्हणपांत आपणें हार खाली तरी पाढे म्हणपांत जैतिवंत जातलों म्हूण ताका दिसतालें. पूण अय्यगळाल्या मठांत पाढे जिबेरच घोळटात. सर्तेंत लच्चण्णा केन्नाच मुखार आसनाशिल्लो.

सदां भशेन तांच्यांत खेळप, धांवप, उलोवप, काणी सांगप ह्यो सगळयो सर्ती जाल्यो. खंयच्यांतय जिखपाक जायना जावन एकांत तरी आपूण व्हडपण दाखयतलों म्हूण लच्चान 'हांव उडुपी, ना जाल्यार कुंदापुरांत इंग्लीश शिकपाक वतलों' म्हळें. ओरटान आपणालें व्हडपण सांगपाक "हांव येता त्या म्हयन्यांत अण्णा आयल्यार, ताच्या वांगडा बेंगळुरा वतलों" म्हळें. दोगूय घरांतलीं व्हडपणाचीं उतरां आयकत आसताले. आपूण दुसऱ्या परस व्हड म्हूण दाखोवपाक व्हडांनी उलयल्ली भास तांणी घोळयली. "भटा पोराले जिबेर इंग्लीश घोळचेच ना." म्हूण ओरटान म्हळें. "तशें कोणे म्हळें?" म्हूण लच्चान विचारलें.

"बाप्पाच सांगता. मंत्र सटसटीत म्हणटात तशें इंग्लीश सोपें न्हय खंय. कोण तरी एदाटे खंय वकील जावपाक इंग्लीश शिकपाक गेलो आनी धा धा पटीं नपास जावन आतां घरा येवन जोत घेवन शेत कसता खंय."

"तो कोण तरी तुजे भशेन अय्यगळाल्या मठांत शिकिल्लो आसपाक जाय. देखूनच सरकारी शाळेंत वचपाक जाय म्हणचे."

"सरकारी शाळेंत वतल्यांक जातच नासता. थंय सगळे पाड जातीचे एकठांय येतात खंय म्हूण आमचे अय्यगळ सांगतात."

"कूऽय, तुमकां बरी जात आसा! बेंगळूरांत कोणा कोणाल्या उश्ट्याचीं आयदनां घांसतल्यांक!"

अशीं उतराक उतरां वाडत लच्चा आनी ओरटांत झगडींय जालीं. दोगांनीय एकमेकां कडेन उलोवचे नात म्हूण सोपूतय घेतले. त्या दिसा सांजे जाय तो वेळ मेरेन ते उंडीफळां पुंजायत एकेकटेच खेळळे. तशे ते खेळटा आसतना पैस समुद्रांत वचपी एक बोट दिसली. ताजो धुकट पळोवन "ए ओरटा, आगबोट पळय विलायते साकून येता खंय ती" म्हूण लच्चान म्हळें.

ओरटाक ती पळयन दिसली आनी तो ताच्या वांगडा वेळेर धांवलो. ''ती मुंबयसून येता खंय'' म्हयन्याक एक पटी तरी आपणाक दिसपी बोटीची खबर ओरटान सांगली. ''राती बोटीवेले दिवे मात दिसतात'' म्हूणय ताणें सांगलें. लच्चान ओरटाक ''चड करून फाल्यां हांव पडुमुन्नूराक वतलों'' म्हळें. ''म्हाका बेंगळूरा व्हरपाक अण्णा बेगीन येतलो'' म्हूण ओरटान सांगलें. आतां ते एकामेकांक निरोप दिवपी इश्ट जाल्ले.

त्या उपरांत तीन-चार दिसांत लच्चा पडुमुन्नूराक गेलो. ताच्या शिक्षणा विशीं ताच्या आज्यान गांवांतलो बुदवंत जो आसा त्या दासप्पा मास्तरा कडेन सल्लो घेतलो. एक दीस ऐताळ मांवागेर आयले. त्या दिसा जाणटेल्यांनी एकठांय बसून भासाभास केली. दासप्पा मास्तरान ''शिक्षणाक उडुपीच बरो गांव'' म्हळें. ''सदां घरा येवपाक जाता. दनपारचें जेवण मठांत जाता. कोणाल्याय हॉटेलांत पडपाची गरज ना'' अशेंय म्हळें. ''मास्तरान सांगले नंतर हांव आनी कितें उलयतलों?'' म्हूण मादप्पय्यान ताका मान्यताय दिली. 'जायत' म्हूण ऐताळांनीय घरची वाट धरली.

तांच्या मनांत एकच चिंता आशिल्ली. चल्याक आजोळाच दवरिल्ले विशीं सरसोती कितें म्हणटली काय म्हळ्ळो भंय ताका दिसतालो. मावाक लागून आपणालो खर्च उणो जातलो हें जाणा जाल्ल्यान तांकां खोस जाल्लीच. सांजे ते घरा पावले. ''पडुमुन्नूराक कोणाकय विचारल्यार शिकपाक उडुपीच बरें म्हणटात. कुंदापुरांत चड खर्च येता खंय.'' म्हळें. ''आमकां खंयूय आसलो म्हूण कितें?'' सत्यभामेन म्हळें. सरसोतीन तोंड वांकडें केलें आनी ती थंयसून गेली. दुसऱ्या दिसा तिणें भावाक आपोवन ''अण्णा, दुसऱ्याल्या रिणांत चोरडांक वाडोवप बरें न्हय. तुका आसा तो एकच पूत. फाल्यां लच्चाक आज्याली ओड आसतली, शिवाय तुजी न्हय'' म्हळें. ऐताळांचे मन हाल्लें. भैणीचे विचार चुकीचे म्हणचें तांकां धैर्य नाशिल्लें. आपणालो पूत आपणा कडसून पैस वचत काय अशेंय तांकां कांय वेळा दिसतालें. पूण पडुमुन्नूरच्या मांवान सांगिल्ल्या उतराक ना म्हणपाचें धैर्य वो मन तांकां नाशिल्लें. हें वटेन सत्यभामेचें मन सदां पडुमुन्नूरचे वटेन आसप हें सहज आशिल्लें. तिजे कडेन उलयल्यार ''कुंदापुरात आसचो न्हय अशें म्हजें मत न्हय. पूण थंय शीक जाल्यार, नज जाल्यार कोण पळयतलो? हांगा तर तो सदां आज्यागेरच येतलो. दनपारचो मात चलो दोळ्यां सामखार नासतलो'' अशें तिणें म्हळें. हीच धाटणी घेवन ऐताळान सरसोतीक तें बरे तरेन पटोवचें पडलें. ''कुंदापुरांत कोणाकोणाल्या हॉटेलांत गोटे खावन रावपाक जाय. चल्याक केन्नाय बरें ना जालें जाल्यार पळयतलो कोण?'' थंयसून हांगा हाडचें पडलें ना? ताजीं कामां तो करून घेवपाक समर्थ जा मेरेन उडुपी बरें न्हय? ताच्या मात्याक तेल घालून केंस सारके करपाचे नाकात? ताका न्हाणोवपी नाका? सप्तकाक एक फावटीं तरी आंगाक तेल लावप नाका? हें सगळें हॉटेलांत जायत? कोण करतलो? आतां चल्याक धावें वर्स मात लागता; ताजें न्हाण, ताजें तेल करपाची शक्त ताका आसा? चल्याक हॉटेलांत दवरून तो कसो आसा काय म्हूण चिंता करत बसचो प्रसंग आमचेर येतलो'' म्हळें. हें सगळें तिका पटलें. आत्मीयतेन सांगिल्लीं उतरां तिका भायर मारप साध्य ना जालीं. तिणे ''जांव, तशेंच जावं कोणेंतरी चल्या कडेन आसचें समा'' म्हळें. पूण तिगेल्या मनांत, 'मुळांत केल्ली चूक म्हळ्यार सरकारी शाळेत घालपाची' अशें परतें परतें दिसले बगर रावलें ना.

लद्याविशीं चर्चा करपाक घरांतल्यांक आतां वाव नाशिल्लोच. ताणें पडुमुन्नूरांतच रावन शिकपाक उडुपींत सदां वचून येवचें म्हूण थारायलें. शाळा सुरु जाली. आदीं थारायिल्ले भशेन उडपींतल्या इंग्लीश हायस्कुलात ताका घालो. त्या दिसा दासप्पय्या मास्तर लद्या वांगडा गेल्ले. लद्यान तशें उडुपी पैलीं पळयिल्ले. प्राथमिक शाळेंत वतनाय पर्याय, लक्षदीप आदी उत्सवांक उडुपी वचून तो येतालोच. उडुपीचें देवूळ, उत्सव आदीं पळयिल्लें ताजें मन, थंय वचपाक सदां आवंडेतालें. तें आतां सदांच पळोवपाक मेळटलें म्हूण ताका खोस जाली. सकाळीं तो न्हातालो. मनांत येत तर पुस्तक वाचतालो. त्या उपरांत जेवन घेतालो. उपरांत पुस्तकांची पोती फाटीर मारून शाळेक वतालो. घर आनी उडुपी मदलें तीन-चार मैलांचे अंतर चलप सुरवेक बेजाराचें जरी नाशिल्लें तरी ताका पुरो जातालें. पूण वाटेर एक ना एक वांगडी मेळटालो. शाळेंत वचून थंय तो शिकतालो. दनपारचे शाळेक मदली सुटी आसताली. त्या वेळार नेमून दिल्ल्या हॉटेलांत जेवण सोपोवन परतून शाळेंत वतालो. सांजे पांच वरार शाळा सुट्टाली. उपरांत वाटभर खेळत घरा पावतालो. पुरो जावन नातू येतलो म्हूण दारार उबी रावन वाट पळोवपी आजी आसतना ताका चिंता कसली? खावपाक कितें ना कितें ती तयारच दवरताली.

दीस सरताले, म्हयने वताले. हें नवें वातावरण ताका खूब बरें मानवलें. शारांतल्या लोकांची शिटूकसाण आनी उलोवपाची तरा ताज्यांतय दिसपाक लागली. इंग्लीश वाचतना ताका अभिमान दिसतालो. वाटेर खेड्यांतले लोक मुखार येतात तें पळोवन वांगड्यांक इंग्लीशींत उलोवपाक लावन आपुणय उलयतालो. म्हयन्यान दोन म्हयन्यान कोडीक गेल्यार थंय बापूय आनी व्होडाम्मा मुखार इंग्लीश उलोवन दाखयतालो. तेन्ना राम ऐताळाली खोस सांगची न्हय. चलो चार वर्सांत वकील जातलो म्हूण तांकां भरवंसो दिसतालो. कितेंय जावं, शीनमय्याल्या धाकट्या ओरटालागीं इंग्लीश कातरपाक जाय म्हूण लद्या हट्टाक पेटिल्लो. पूण हो गांवांत पाविल्ल्या वेळार ओरटा देंगळूराक पाविल्लो.

वर्स सरता म्हणसर रजेंत घरा येवपाकच जाय म्हळळी इत्सा लद्याक उणी जायत गेली. शाळेक रजा आसतनाय उडुपींत भोंवन येवपाची इत्सा जावपाक लागली. रजेंत थंय शाळेंत वचून करता कितें म्हूण कोणेंय विचारल्यार जाड जाड पुस्तकां दाखयत, "पयलीं भशेन न्हय आतां; खूब वाचपाक जाय" म्हूण जाप दितालो. रजेंत घरा येनासतना उडुपी, पडुमुन्नूरांत ताणें वेळ काडप सरसोतीक बरें दिस नाशिल्लें. ती वेंळ मेळटा तेन्ना भावाक "पळयलें, ताका आमचो गांवच नाका जाला. घर म्हूण तरी ताणें येवपाचें नाका?" म्हूण म्हळयार "अभ्यास आसा सो दिसता" अशें म्हणत चल्याची ऐताळ वकालत करताले. पूण सरसोतीक तें कांय पटनाशिल्लें. "तूं कितेंय सांग, ताका आमचे घरचें जेवणच चलना. आमी कितेंय खावपाक दिल्यार तो 'हाका रूवच ना' म्हणटा. थंय आज्यागेर खूब काळजी घेतात आसतले. जावं, म्हाका कितें?" म्हळयार "तूं न्हयनस्तें उलोवंनाका" म्हळळी ऐताळाची जाप येताली. आपणालें खरें म्हूण दाखोवपाक तिणें जेवतना मुद्दाम उलोवचें पडलें "आयचें भाजे रोसाक कितें जालां? ताजे खातीर घारयो, मोदक बी केल्यात न्हय? तुवें तितले खाले, पूण ताणें हातच लायलो ना! कित्याक? थंय आज्यागेर करतात तशें पक्वान्न करपाक आमकां कळना न्हय"! म्हळें. त्या दिसा पुताक खावोवपाक जाय म्हूण सत्यभामेन नाल्ल आनी तांदूळ वांटून घारयो, मोदक, कोडबाळीं बी केल्लीं. त्या सगळयांक

दाव्या दोळयानय पळयनाशिल्ल्या लद्याविशीं तिकाय राग आयलो. त्या दिसा चल्याक गवजी घालपांत तिणेंच वांटो घेतलो. जेवपावेळार बापाय मुखार इतली गवजी घाल्यार लद्या आयकत? थंयच ताजे दोळे तांबडे जाले. तागेल्या दोळ्यांतल्यान दर्याच भायर सरलो. अर्दारच जेवण सोडून तो भायर आयलो. राम ऐताळान रागान "वेंता येदो ना; तुका घरच्यांनी चार उतरां म्हळयार व्होडपणाक उणे जालें?" म्हळें. तरी लद्या परत जेवलो ना. ताणें पक्वान्न हुंगूनय पळयलें ना.

कशें बशें ताणें घरांत दोन तीन दीस काडले. निमाणें "म्हजें वाचपाचें खूब आसा; हांव आज्यागेर वतां" म्हळें आनी तो गेलोच. तेन्नासाकून रजेंत बापायगेर येवप ताका नाका नाका अशें दिसपाक लागलें.

अशींच पांच वर्सां सरलीं. लद्या आतां तिसऱ्या फार्मात शिकतालो. ऐताळ एक पटी उडुपी शाराक आयले. तशेंच चल्याली शाळा सोदून थंय आयले. फकत चल्याक दोळे भरून पळोवपा इत्सेनच ते आयिल्ले. परत वतना "तुका आवयक पळयन अशें दिसना काय कितें? पैरच सात दिसांची रजा आशिल्ली खंय" म्हळें. "रजा आशिल्ली, पूण रोखडीच परीक्षाय आशिल्ली" म्हूण लद्यान जाप दिली. "तें सोड, आतां गिमाची रजा केन्ना सुरु जाता?" म्हूण विचारले. "आनीक दोन सप्तकां आसात," म्हूण ताणें जाप दिली. "रजेंत घरां चुकनासतना यो" म्हळें. "हां" म्हूण अर्घ्या मनान लद्यान जाप दिली. "देवान योग हाडल्यार तुगेले भयणिलें लग्न करपाचो विचार आसा." ऐताळान चल्याक सांगलें आनी ते घरा परतले.

गिमाची रजा पडली. लद्याक पडुमुन्नूर साकून घरा गेल्या बगर उपाय नाशिल्लो. शिवाय राम ऐताळान मांवाक "रजा सुरु जातकर चल्याक घरा धाडात; ताका घरची याद आसा अशें दिसना." म्हळळें. हें उतर जरा कडक जालें. पूण हालीं चल्याक पळोवपाची तांकां चड इत्सा जायत आसत्मली. आपणालें वय पंचावन्ना कडेन पावलां. केंसय पिकल्यात. पैलीं भशेन आंगाक ताकतय नाशिल्ली. कशीय सुब्बी बारा वर्सांची जाली. तिगेल्या लग्नाक बरोच कळाव जाला. इतले दीस सुब्बी तांचें सगळयांचें मोगाचें जाल्लें. ताका लागून लद्या पैस उरलो तरी तितलो बेजार येनाशिल्लो. सुब्बीचें लग्न जावन घोवागेर गेल्यार परत घर मोकळें दिसतलें म्हूण तांका बेजार दिसपाक लागलो. जातकात आशिल्ले भशेन आपणालो तिसरो भुरगो जातलो म्हूण ऐताळान वाट पळोवनय ताजो उपयोग जालो ना. हाका लागून तांचें भटपण मुकार चलोवपी कोणच ना जातालो. अशा वेळार लद्या तांचे कडसून पैस आसप हें तांकां सोंसना जालें. ‒

लद्याचें कितें सांगचें! रजा सुरु जावन सात आठ दीस जाले तरी ताका घरा येवपाची इत्सा जाली ना. आज्यान तीन चार पटीं सांगलें तरी, सदां उडुपी वचप, ताच्या बरोबरच्या वांगड्यांबरोबर भोंवप, हे बगर तो कोडीच्या वनवासांत वचपाचो विचार करना जालो.

ऐताळ सदांच पुताची वाट पळोवन बेजारताले. मदीं तांकां मातय उसरपत मेळ्ळी ना. धुवे खातीर न्हवरो सोदपाक जाय आशिल्लो. गांवचे आतांच "सुब्बी म्हशे भशेन, हती भशेन वाडलां. चली वाडले उपरांतच इंग्लीश ऐताळ तिजें लग्न करतले!" अशें म्हणपाक लागिल्ले. अशे तरेन हिणसायतल्यांत शीनमय्या मुखार आशिल्लो. तांणी तांच्या दोन चलयांचीं लग्नां केल्लीं. लग्नाक नागवेणील्या चेडवांचो मेळ हाडपाचो विचार आशिल्लो.

वासदेव सावकारानय तशें म्हळें. पूण व्हड पुताक राग येत म्हळळी भिरांत आशिल्ली. दर म्हैन्याःक पैशे धाडून बापायक गांवचो नांवाजतो गिरेस्त केल्ल्या चल्याक भियेले बगर ते कशे रावतीत? शिवाय हालींच ते बेंगळुरा वचून आयिल्ले. तांच्या चल्याचो गडगड आनी हॉटेलांतलो व्यापार पळोवन 'तांचे पांय जमनीकच लागनात' अशें जाल्लें. हे शीनमय्या ऐताळांक हिणसावपाक लागले जाल्यार ऐताळाक कशें सोंसत? कोणेंतरी म्हळें, "तुमचे सुब्बीक शीनमय्याल्या दुसऱ्या चल्याक कित्याक दिनात?" सरसोतीक हो विचार रोखडोच पटलो. पूण "तांचो सहवासच आमकां नाका" म्हूण ऐताळान म्हळें. कोणें तरी ही गजाल मय्याल्या कानार घाली. तांणी 'इंग्लीश ऐताळाली चली हाडपाक हांव अरवळ न्हय' म्हूण आनिकूय हिणसायले. ऐताळान चल्याक इंग्लीश शिकपाक धाडिल्ल्यान शीनमय्याक अशें हिणसावपाक वाव मेळटालो. सुब्बी वाडत आशिल्लो दर एक दीस तर तांकां युगाभशेन दिसतालो. सत्यभामेकय तिगेले धुवे विशीं गांवच्या लोकानी दर दिसा केल्ले टिकेन वायट दिसतालें. "तुमी बाप्पा कडेन म्हणात, तो खंयचोय एक भुरगो पळयतलो" म्हूण तिणें घोवा कडेन म्हळें. सरसोतीन भावाल्या कानांत "अण्णा, केल्ली एक सोयरीक अर्द शिवळळी, पाऊण शिवळळी म्हूण गांवचे हिणसायतात. परतून पडमुन्नूरकारांक सांगल्यार, तांणी तसलीच सोयरीक केल्यार?" म्हूण म्हळें. हें तशें फट न्हय. तांगेल्या लग्नाविशीं लोक हिणसायतात ते जाणा जाल्ल्यान तांकां खूब वायट दिशिल्लें. तांणी तकली खरपीत "कितें करपाचें सरसोती; शें-दोनशें जातकां पळयलीं. आमच्या पाड्या गोत्राक योग्य अशे गोत्रांत जातकच जुळना. शिवाय शिवळळी, अर्ध शिवळळी म्हूण हिणसावपी वेगळे आसातच. तेंवूय उणें म्हूण सुब्बी जल्माक आयिल्ल्या नक्षत्राक सगळेच कांचवेतात. ताका लागून न्हवऱ्याल्या आवय बापायक वायट आसा म्हणटात. आवय बापूय नाशिल्ले कडेन जातक जुळटा थंय शेतभाट आशिल्लो न्हवरो कोणच मेळना" म्हळें. सरसोतीन "अण्णा, पन्नास पोवनाचे भांगर घालतां म्हूण तोंड उगडून सांगल्यार जातक आपुणच जुळटा. ऐताळ दमडी काडपी न्हय म्हूण सगळे पैलींच फाटीं सरतात. पळय, आमगेल्या मंदर्तीतल्या घरांतच तीग लग्नाचे भुरगे आसात. सुब्बीचें जातक एककडेन तरी जुळळे बगर रावचें ना" म्हळें.

दुसऱ्या दिसा घरांत परतून लग्नाची खबर सुरु जाली. पारोतीन भितल्ल्या आवाजांतच "मंदर्ती गांव तसो वायट न्हय; पुण घाटावेलो गांव तो... देवालो एक प्रसाद पळोवया. थंय जायत म्हूण आयल्यार उलोवन येवचें बरें. पावलां पावलार हिणसावपी गांवांत मात सोयरीक नाका" म्हळें. "हय आक्का, तशेंच केल्यार जातालें," म्हूण सत्यभामेनय म्हळें.

ऐताळान "आयचो दीस बरो न्हय" म्हूण वचपाचें फाल्यांचेर धुकळळें. दुसरो दीस उजवाडटना सक्काळफुडें न्हावन ते देवाक शरण आयले. न्हावन अनवाळें न्हेसून कुशीक सत्यभामा हात जोडून उबी रावली. सुब्बीय तांच्या वांगडा आशिल्ली. देवाक मंगलारती करून जाली. ऐताळांनी "देवा, मर्याद राख" म्हूण प्रसाद लायलो. 'उजवो' ते खोशयेन आड्डले. जांव, त्या दिसा सरसोतीक जाल्ली खोसः सांगपाची न्हय! ऐताळांकय उत्साह आयलो.

"आजूच जातक हाडतां" म्हणत बेग्याबेगीं रांदप करपाक फरमायलें. रांदप जालें; जेवणय केलें. पंचांग पळोवन वायट वेळ चुकोवन फाटल्या काळातलो पांचवो मुकटो कमराक गुटलावन न्हवरो सोदपाक ते भायर सरले. पांय भाजपी जमनीवेल्यान, रखरखपी

वतांत, तो एकच विचार मनांत घेवन, ते बारकूरावटेन वचपाक लागले. सांजे तिळसांजचे कातरेर ते मंदर्ती गांवच्या सोयऱ्यागेर पावले. घरा सामखारच तांकां वेंकप्पय्या मेळळे. वाटेर वतना ऐताळांक शुभशकून जायत आशिल्ले. वेंकप्पय्यान ऐताळांचो बरो आदर सत्कार केलो. "सरसोती बरी आसा मूं?" म्हूण विचारलें. तांच्या धाकल्या भावाकच सरसोती दिल्ली. दिल्ल्या दोन वर्सांतच तो हो संसार सोडून गेल्लो. तांकां दुःख जाल्लें. दोन तीन वर्सांत एक फावट सरसोती मंदर्तीक येवन रावताली. वेंकप्पय्याली तिजे विशींची माया उणी नाशिल्ली. तांचें मनच तशें भावार्थी आशिल्लें.

तांची आतां साठा लागीं पिराय पावल्या. तिसरेपणाचें लग्न जालां. दुसरे बायलेच्यो दोग चलयो; तिसरेक तीग चले. व्हडल्या चल्याक वीस वर्सां पिराय. उपरांतचे एकेक वर्सान ल्हान. वेंकप्पय्यान "सरसोती बरी आसा मूं?" म्हळ्ळयाक ऐताळान "तिणें सुचयिल्ल्यानच हांगा आयलां" म्हळें. "तिणें हांगा येनासतना तीन चार वर्सां जालीं; एक फावट आयल्यार जातालें" म्हूण वेंकप्पय्यान आत्मीयतेन म्हळें. ऐताळय तेच भावनेन उलयले. त्या दिसा राती जेवणा उपरांत तांचे कडेन आपूण आयिल्ल्याचें कारण ऐताळान सांगलें. वेंकप्पय्यान "ऐताळानो, म्हाकाय वय जालां. आदले भशेन धांवपळ जायना. व्हड पुताक व्हाड्डीक जाली ना. करपाक जाय म्हणटां. हांवय भायर जातक मागपाक गेलों ना... येतले, रुणानुबंध आसत तर जातलेंच म्हूण रावलों" म्हूण सुरवात केली.

रोखडेंच तांणी आपणाल्या तिगांतल्या दोगां पुतांचीं जातकां तांचे सामखार दवरलीं. ऐताळांनी जातकां पळोवन बरोच वेळ विचार केल्या उपरांत "पैल्याचें मध्यम, पूण दुसऱ्याचें उत्तम आसा; तुमी कशें म्हणटात तशें करपाचें" म्हळें. "व्होड पुताचें लग्न जाले शिवाय धाकल्याचो विचार करप बरें दिसना" म्हूण वेंकप्पय्यान जाप दिली.

ऐताळाक कशेंय जाल्यार जातालें! "मुख्य म्हळयार आमगेल्या दोनूय घराण्याक एकठांय येवपाचो योगच आसा असो दिसता" म्हळें. जालें, त्या दिसा रातींच निर्णय घेतलो. लग्न केल्यार गीमातच करचें म्हूण ऐताळान आनी तांणी मेळूनच थारायलें. दुसऱ्या दिसा राम ऐताळ, यक्षगान प्रहसनकार म्हणटात तशें 'वायुवेगान' घरा पावले. त्या दिसा घरांत सगळे वटेन खोस फुल्ली. सरसोतीन सुब्बीक आपोवन "भांगराभशेन घर पोरा तें. थंय आसप आनी हांगा आसप एकच. तें तुका सासमायचें घर अशें दिसपाचेंच ना" म्हूण सांगलें. सत्यभामेक खूब समाधान जाल्लें.

ऐताळान मनांतच दीस थारायलो. "कोणाकडेनय कांय सांगचें नाका. शीनमय्यान जावं, शंकर अय्यगळान जावं ह्या कार्यांत आनी फातर घालपाक नाका" म्हूण येवजिलें.

हो उत्साह फुलत आसतनाच तें रातीं ऐताळांक जोर आयलो. जोर आयलो तो सामकोच फणफणलो. येरादारी काडपाक आनी तोंडान उलोवपाक ऐताळ घट आशिल्ले खरे, पूण दुखणें मात तांकां सोंसपाक जायनाशिल्लें. मातूय आंग तापलें जाल्यार "आंग सगळें खतखत्ता" म्हणपी. हाका लागून तें रातीं तांणी घाल्ली धांदळ सांगपाची न्हय. ते धांदळींतच तांकां लच्चाली याद जाली. "ताका रजा पडली तरी आमकां पळोवपाचो इत्सा जायना काय? आबा, आतां कालची हीं चोरडां!" म्हूण आड्डुले. तांचो मनस्तापय वाडलो. हाका लागून सरसोतीन सुराक पडुमुन्नूराक धाडलो. दुसऱ्या दिसा सांज मेरेन लच्चा येदेंशें तोंड करून घरा पावलो. ताका पळोवन "तुका रजा पडून कितलें दीस जाले?" म्हूण

ऐताळान विचारलें

"एक सप्तक" ताणें जाप दिली.

"एक सप्तक जालें तरी हांगा येवपाक जालें ना? आतां कित्याक आयलो? हांव मेल्या उपरांत आयल्यार जाल्लें" म्हणत ..च्चाली बरी मंगळारत केली. लच्चान तो वेळ मेरेन बापाय कडसून अशें उलोवन घेवंक नाशिल्लें. तो सामकोच देंवलो. सान भुरग्याभशेन रडत कोनशाक वचून बसलो. रातीं जेवलोय ना. सरसोतीन आनी पारोतीन फुसलायलें तरी तो हाल्लो ना.

दुसऱ्या दिसा ऐताळान हांतुळूण सोडिल्लें. "उदेंतेकडलें उदाक पिल्ल्यान हो जोर आयलो, काय वतान तापिल्ल्या वेळार उदक पिल्ल्यान आयलो काय" म्हूण येवजिता आसतना जोर काडिल्लो. पूण आंगांत त्राण नाशिल्लें. आतां ते जरा हांगा-थंय फिरपाक लागले. "चलो खंय?" म्हूण लच्चाक आपयल्यार तो उतरिल्ल्या तोंडान मुखार येवन रावलो.

"जल्माक घाल्ल्यांक विसरपाक जायना" म्हूण ऐताळांनी उपदेशाचें आनी एक उतर सोडलें. तितल्यात सरसोतीन येवन "भुरगेपणाक लागून थंय चार दीस रावलो जाल्यार तुवें ताजेर इतलो राग कित्याक काडपाक जाय? काल रातीं तो जेवलो ना" म्हळें

"तुमी सगळयांनी अपुरबाय केल्ल्यानच ताका मात्याक चडला. ह्याका नय जायत आयलां. म्हज्या वांगडा रावन एक उतर उलोवपाक जाय म्हळळी ताका बुद्ध नासत तर तो आसून फायदो कितें?" ऐताळान म्हळें.

लच्चाले दोळे परतून व्हांवपाक लागले. पारोतीन येवन "सोडा, कितले फावटी उलोवप ताका?" म्हणचें पडलें.

इतल्यान एक अध्याय सोंपलो. ऐताळ जोरांतल्यान बरे जालें आनी सुब्राय उपाध्यायाक आपोवन धुवेल्या लग्नाचे तयारेक लागले. माटोव, बाजार, भांगर हाका लागून उसरपत येनासतना वावुरपाक लागले. सत्यभामा कुळारा एक फावट वचून आयली. मादप्पय्यान "तो जोराचो गांव न्हय?" म्हळयार "नशिबांत बरयिल्लें तशें जाता" म्हूण ऐताळान वेदांत सांगलो.

आतां लग्नाचो बोवाळ सुरु जाल्ल्यान, ऐताळांची धांवपळ चड जाल्ली. लच्चाक बरेंच धैर्य आयलें. ऐताळ सामखार आसतना माथें सकयल घालून हांगा थंय घुटमळिल्ले भशेन तो करतालो. एकेक पंता 'पडुमुन्नूराक वचचें' अशें ताका दिसतालें. पुण भैणीचें लग्न तोंडार आसतना वचपाक जाता?

ऐताळान एक दीस "लच्चा, म्हज्या वांगडा यो, कुंदापुरांतलो बाजार पळयिल्ले भशेनय जातलो. घरा देवा भशेन नाक धरून बसल्यार कितें मेळता?" म्हळें. "ना" म्हणपाचें धैर्य नाशिल्ल्या तो बापाय फाटल्यान गेलो. एक दीसभर तांचे फाटल्यान उकत्या पांयांन, रखरखपी वतांत भोंव-भोंवत कुंदापुरा पावलो. बाजारांत मोन्याभशेन भोंवन परतून घरा पावलो. ताका जाल्लें पांया दुखेक तीन दीस मेरेन उपचार करचो पडलो. अशें तरेन लग्ना घरांत सोयऱ्या भशेन बसून रावपाचो प्रसंग ताजेर आयलो.

"हीं इंग्लीश शिकिल्ली भुरगीं इतलीं बोदरोळू आसतलीं म्हूण हांव नकळ आशिल्लो" म्हूण बाप्पायन तोंड सोडिल्लें पळोवन, आतां करचें कितें म्हूण तो घरांतलें काम करपाक

गेल्यार "तें करपाक कळना; हें करपाक जमना" अशीं ताजी पंचायत जाताली. "लच्चा, पापडाची लातीय करपाक जायनात? तीन, चार हजार पापड जावपाक जाय पुता. घरांत कोणूय गप्प बसला काय पळय" म्हूण एक पटी आवयनय म्हळें. तें आयकुवप सोंसना जावन तो त्या कामाक लागलो. पूण लाटफळयाक आनी लाटणेक पापडा-पीठ चिकटत आशिल्ल्यान तें काडपाचें हेरांक एक चडावत काम जावन बसलें.

आपूण एक पटी पडमुन्नूराक पावल्यार पुरो? अशें लच्चाल्या मनाक दिसपाक लागलें. घरांत ताजो वेळ वचना जालो. आपणें आनी शीनमय्याल्या ओरटान ल्हानपणांत खेळिल्ल्या उंडी झाडांच्या पोंदा ताका एकट्याकच बेजारान वेळ काडचो पडटालो. थंय नाका जाल्यार समुद्रा वेळ आसा. रंगरंगयाळयो शिंपयो वेंचत थंय खेळपाक जाता. तेन्नाय बेजार आयल्यार रेंवेंत भुंयार काडटालो. तें करून पुरो जाल्यार समुद्रा पाळां मेजत बशिल्ले भशेन अस्तमतेक तोंड करून बसतालो. 'ह्या जल्मांत आयलो नाशिल्लो तसलो परिक्षा काळ आतांच कसों आयलो?' म्हळी खर चिंता ताका सतायताली. आपल्या बापायगेर सगळे जाण मानायाभशेन काम करतात तें पळोवन "दुडू वांचोवपा खातीर बाप्पा अशें मानाया भशेन घोळटा" अशें ताका दिसपाक लागलें. राम ऐताळाक पुता कडसून मोग जाय आशिल्लो. तो दिवचो विचार ताका येवचें पैलींच तागेल्या मनांत सगळयांविशीं तात्सारच उदेलो.

सांतेतसून घांटी मिरसांगे वजें राम ऐताळ मात्यार घेवन येतना तांचे फाटल्यान मोन्याभशेन आपूण येतालो तें येवजलें तशें- "गाडये भाडें दिवपाक बापायकडेन दोन आणे नात तर?" म्हूण तो बापायचेर मनांतल्या मनांत पिंरगलो. ताजे तकलेंत अशें विचारांचे विचार घोळटा आसतना ताजे हात एक काडी घेवन जमनीचेर वांकडे तिकडे गेरे घालत आशिल्ले. ते अर्थनाशिल्ल्यो कुरवो समुद्राचें एकेक पाळ येवन पुसत वतालें. तो परतून त्याच उद्योगाक लागतालो. निमाणें आपणें काडिल्ले गेरे काळखांत आपणाकच दिसनात जाले म्हणटकर "हां, वेळ बुडलो; आतां बंदखणींत वचया" म्हणत तो घरा वतालो.

अशे तरेन लग्नाचो दीस यो मेरेन तो दर खिणाचो हिशोब घालतालो म्हळयार फट जावचें ना.

O

13

सुब्बीचें लग्न लागीं पावलें. सप्तकभर आसतना मादप्पय्या आपले बायले वांगडा ऐताळागेर पावले. तांणी आपले नाती खातीर चार-आठ जातकां जरी पळयिल्लीं तरी आतां जुळिल्ले सोयरिकेक लागून तांकांय खोस जाल्ली. तांगेल्या मूळ घराण्याक आनी हांकां खंयचो तरी बादरायण कालाचो संबंदय आशिल्लो अशें दिसता. ते आपूण जावन जांवयागेर येवन सगळ्या कामाक हातभार लावपाक लागले. ऐताळांचें कामा वजें ल्हव जालें. पूण हाका लागून तांचो आतांचो बरें मागपी सुब्राय उपाध्याय तितलो समाधानी दिसलो ना. कशेंय जालें तरी चार दिसांचे लग्न गडगडांत जालें. आपणाक दिल्ल्या घरांतच सुब्बी पावलें म्हूण सरसोतीक भोव खोस जाल्ली.

ह्या लग्नावेळार लच्चाचें कितें जालें ते कळ्ळें ना. आज्यान आनी बापायन "आमगेलो चलो इंग्लीश शिकता; देवान दया केल्यार बी. ए. जावन वकील वो तहशीलदार नावं येता" म्हूण अभिमानान सांगल्यार लच्चा मात तांणी आपयल्यार लागीं येवपाकच तयार नासतालो. आयल्यारय मोन्या देवाचो अवतार घेतालो. तेन्ना ऐताळ सामकेच बेजारून "कितें पुता, आयिल्ल्याकडेन 'एस्-पेस्' करून उलोवपाक कळना जाल्यार तुजें इंग्लीश कित्याक उपकारता?" म्हणटाले. त्या उपरांत कोणाचेच नदरेक पडचें न्हय म्हूण लच्चा लग्ना-माटवा भायर भोंवपाक लागलो. थंय ना जाल्यार समुद्रा वेळ आशिल्लीच. लग्ना घर म्हळयार एक-दोन कामां आसतातच न्हय? त्या कामा खातीर हेरांचो आधार घेवचो पडिल्ल्यान ऐताळांक बेजार जाल्लो. "हे कसले इंग्लीश सायबा! आयिल्ल्यांक एक तांबयोभर उदाकय हाडून दिवपाक घरांत रावल्यार जायना? हे कोणा दुसऱ्यांचें घर?" म्हूण ते म्हण्टाले. तांच्या दोळयां सामखारा लच्चा दिसलो आनी 'पान हाड, पिवपाक उदाक हाड' म्हळयार तो सुपारी आनी चुनो हाडनासतना पानांच हाडटालो; गोड हाडनासतना फकत उदाकच हाडटालो. इंग्लीश शिकिल्लीं भुरगीं घर कामाक उपकरनात म्हूण राम ऐताळांनी मनांतच हिशोब घालो.

लग्न सोंपलें. आयिल्ले सोयरेय गेले. बापायन सांगलें म्हूण दिबणा वांगडा लच्चा सुब्बील्या घोवागेर गेलो. थंवूय भुरग्यां वांगडा भरसलो ना. जाणट्यां वांगडा रावचें अशेंय ताका दिसलें ना. तो घरा परतलो. लग्ना माटोव काडून सगळें मेकळें केल्या उपरांत ऐताळान मांवाकडेन "मांवा, म्हाका म्हज्या लच्चालो हुसकोच चड जाला" म्हळें.

"ताजो हुसको कसलो? आंगाक बी बरें ना काय कितें?"

"ताका कांय धाड जाली ना. बरें वाडल्यार पोट भरून जेवता. पूण तो असो बोदरोळू जातलो म्हूण हांवें केलें नाशिल्लें. खंयचेंय काम ताज्यान जायना; सांगल्यारय ताजे तकलेंत वचना. असल्याक इंग्लीश शिकोवन फायदो कितें?"

"हांगा ताका पळोवन तुमी अशें येवजितात काय कितें? आमच्या हिका विचारात- तो

उलयता तसो उलोवपी दुसरो नासतलो. कितलो बुदवंत! कितलो शाणो! हांगा ताणें रावपच कमी जाल्ल्यान हांगा येतकर तो गणमणले भशेन जाता जायत.''

इतल्यांत सुब्राय उपाध्याय थंय पावले. हातांत थोड्या पोरन्या कागदाची पोटली आशिल्ली. आयिल्लेच- ''ऐताळांनो, तुमगेरचे लग्न तुमी गडगडांत केलें हां! त्या दिसा, त्या भिकारड्या शीनागेरचें लग्ना दिबण भायर सरनाशिल्ले जाल्यार त्यापरस दुट्टे लोक हांगा पावताले'' अशें म्हळें.

''उजो लागूं ताजे खन्रेक! इतले सगळे म्हूर्त आसतना ताणें आमगेल्या सुब्बील्या लग्ना दिसाच आपणाल्या चल्याचें लग्न दवरचें? वासदेव सावकारागेरची चली हाडता म्हूण वेल्यान तांकां व्हडपण वेगळें. चार जाण येताले तेवूय तांगेल्या कर्मान आयले नात. दर दिसा हांगा वाडिल्लीं शंभर शंभर पानां उडोवचीं पडलीं! जावं, कुळवाड्या पोरांचें नशीब! तांकां तरी चार दीस पोट भरून सुरबूस जेवण मेळ्ळें.''

''तें सोडा, तुमचो लच्चा खंय? दिसना''

''तो? खंय तरी उंडीझाडा पोंदा बिराड घालां आसतलें. तागेलीच खबर म्हज्या मांवा कडेन उलयत बशिल्लों. पोर इतलो बोदरोळू जातलो अशें म्हाका दिसनाशिल्लें.''

''कोण? लच्चा बोदरोळू! बरो धंदो तुमचो.'' सुब्रायान म्हळें.

मादपय्या सडसडीत उबे रावले आनी आंगणा पेल्यान वचून तोंडांतले पान थुकून आयले. ''सुब्रायांनो लच्चा हांगा आयिल्ल्या वेळार ओगी बसता तें पळोवन राम ऐताळ चिंतेस्त जाल्यात.'' म्हळें.

''तशेंच आसता तें. जो ओगी आसता ताजो रंगच आगळो आसता. हांव आतां लच्चाक सोदत कित्याक आयला हें तुमी जाणात तर? हाकाच...'' अशें म्हणत खाक्यांत आशिल्ली कागदाची पोटली तांचे सामखारा दवरून ताका लागिल्लो धैरोव आनी धूळ फापुडत ''ताजे कडसून हें रिकॉर्ड वाचून घेंवया म्हूण आयलों'' म्हळें.

''जालें, तें एक करपाचें उरलां! रिकॉर्ड वाचपाचें. रिकॉर्डांत आसा तें इंग्लीश खंयच्या रायाल्या काळांतले कोण जाणा! हो लजे पुतळो तें वाचतलो?'' म्हूण ऐताळान म्हळें.

''कसलें रिकॉर्ड सुब्रायांनो तें?''

''हें पळयात, मागशीं एका रिकॉर्डांत आमगेल्या घराचे उदेंतेक आसपी दोन शेता कुडके देवकार्याखातीर सोडल्यात म्हूण आसा. पूण ताका जाय तसो पुराव्याचो कागद ना. आतां तेंच शेत शीनमय्यान गुळूम केलां. पैर तुमच्या नातवाक हांवें एक दोन रिकॉर्ड दाखयले. निवळ वाचून, सगळ्यांचो अर्थ ताणें सांगलो. हें इतलें वाचून पळोवन जाय तसो आधार मेळता काय पळोवया म्हूण हाडलां.''

''वाचून सांगलें ताणें! पळयात, सुब्रायानो, ताणें शिकता ते तिसरे यत्तेचे मानान हें चडच जालें. कित्याक तर आमगेले दासप्पय्य मास्तरय इंग्लीशींत उणे नात. पूण रिकॉर्ड-बिकॉर्ड मातूय वाचपाक जमना तांका.''

ऐताळांक तांच्या उतरांचेर भरवंसो बसना जालो. ''जावं, वच तूं तुज्या वकिलाक सोदत. आमचो सूर सांगतालो, तो दीस-रात बसता उंडी-झाडा पोंदांत, ना जाल्यार समुद्रा वेळेर म्हूण. हें गिमांतले वत बरें थंड आसा जायत. आतांय थंयच खंयतरी बसला आसतलो. घरांत जागो ना म्हण्टकर!'' म्हळें.

सुब्राय उपाध्यायान "तर वचून पळोवनच सोडतां हांव. सांगता, राम ऐताळानों, तुमचो लञ्चा, वकील जावपाकच फाव. आतां ताजी योग्यताय पळयतकर, म्हज्या चल्याक रांदपाक धाडचे परस इंग्लीश शिकपाकच धाडल्यार बरें जातालें अशें दिसता. पूण ताका दुडवाचो आधार जाय न्हय?" म्हणत आपल्या कामाखातीर ते समुद्रा वेळेर वचपाक लागले.

हें वटेन आपणाल्या पुताविशीं राम ऐताळ चिंतीत आशिल्ले... "शीनमय्याल्या चोरडांनी हॉटेल घालून जालें तरी बापायचें नांव वयर काडलें. हो कितें करता कोण जाणा!" म्हूण गणमणिल्ले पळोवन मांवान, "हें कितें, पोराचें वय केदें! तुमी कित्याक तरी घरांत ताका उलयले जातले. ताकाच लागून तो भियेता" म्हळें. तशें एक वरा भितर सुब्राय थंय परते आयले. तांणी आंगणाचो देणपो हुपता आसतनाच "ऐताळांनों, हांवें कशें सांगलें! तुमचो पूत असोतसो न्हय. आमगेल्या कुंदापुरच्या वकिला परस एक हात वयरच" म्हणत धांवतच भितर आयले. तांची खोस सांगपाची न्हय. लञ्चाक वाचपाक जालें म्हळळे खोशेपरस धा पटीन चड खोस तांकां तांच्या शेताविशीं मेळिल्ले नवे गजालेक लागून जाल्ली. "पळयात मादप्पय्यांनों, ही निकालाची नक्कल आसा न्हय, ती पोन्नी जाली खरी, पूण ती आमकां जाय तशी आसा खंय. आमगेल्या पारंपळळीचे वासदेव सावकार आनी आमगेल्या बापायमदें जाल्ल्या एका नंबरात मंगळूर कोर्टान दिल्लो हो निकाल खंय. आमगेलें व्हाळा कडेन आशिल्लें 'फिल्ड' देवाक सोडिल्लें म्हूण आसा खंय. फिल्ड म्हळयार शेत म्हूण तुमच्या लञ्चान सांगलें. आतां फाल्यांच कुंदापुरा वचून, हें वकिलाक दाखोवन, शीनाचेर रजिस्टर नोटीस सोडतां" तांणी म्हळें.

मादप्पय्यान तो कागद हातांत घेतलो. राम ऐताळय थंय पावले. ते पुसट निकाला कागद तांचे कडेन कितें उलयतले? ते दाखयत "मादप्पय्या, तुमच्या नातवाची तकली खूब चलाख" म्हणत सुब्राय थंयसून गेले.

राम ऐताळांक तें खरें दिसना जालें. त्या दिसा "आमगेल्या पुताली परिक्षाच घेवपाक जाय" म्हूण तांणी थारायलें.

लञ्चा जेवन न्हिदिल्लो मात, ऐताळांनी "लञ्चा, हांगा यो" म्हूण आपयलें. लञ्चान न्हिदिल्ल्याचें सवंग केलें. निमाणे मादप्पय्यानच थंय येवन नातवाक आपोवन हाडचें पडलें. ताजे सामखार आपूण जाणा जाल्लेच एक-दोन कोर्ट रिकॉर्ड दवरून "हातूंत कितें आसा? ही नागय्य शेट्टील्या नंबरांत मेळिल्ली डिक्री नकल व्हय?" म्हूण विचारलें. लञ्चान गुणगुणत इंग्लीश वाचत, पानां फिरायत, अंदाजान ताजो सारांश वाचून सांगलो. ऐताळांक समाधान जालें. "जायत देवा सायबा! हें तरी एक सारकें जाल्यार पुरो. तुवें घरचे शेत कांय कसचें नाका; इंग्लीश एक करून सार्थक केल्यार पुरो" म्हूण पुताली फाट थापटिली. आज्यान "अशें आसपाक जाय चोरडांन. पंद्रावे वर्सा पिरायेरय इल्ली-इल्ली बुदवंतकाय दिसपाक जाय" म्हूण म्हणत ताका न्हिदपाक धाडलें.

लञ्चा वचून न्हिदल्या उपरांतय ताजे विशींच तांचीं उलोवणीं चलतालीं. लञ्चाले कान जांट्ण्यांगेलीं उतरां आयकत आशिल्ले. ऐताळान- "चल्याचें हायस्कूल शिक्षण कुंदापुरांतच जावं दी. तो गांव हवेकय बरो. शिवाय वयलेवयर म्हाकाय ताजेर नदर दवरपाक जाता. उडपीसून कुंदापुरा घोड्या टांगो सुरु जाता म्हूण आयकल्लें" म्हळें. मादप्पय्यान "ल्हान चोरडांक पैस एकट्याक दवरनयो" म्हळें. "कशेंय जाल्यार शाळा सुरु जावपाक जेश्ट

म्हयनो येवपाक जाय. ताका आजून पंद्रा दीस आसात; तेन्ना पळोवया'' म्हळें.

दुसऱ्या दिसा मादप्पय्या गांवा गेले. वतना ''लच्चाक बेगीन धाडून दियात'' म्हळें. ''तो चार दीस हांगा रावतलो, बाप्पा'' म्हूण सत्यभामेन सांगले.

सुब्राय उपाध्यायान कुंदापुरा वचचे पयलीच मंगळूर कोर्टा निकाला खबर गांवभर केली आनी वांगडा ऐताळाल्या चल्याक, लच्चाक, इंग्लीश वाचप म्हळयार उदाक पिवपा इतलें सोपें म्हुणय सगळयांक कळयलें. कोर्टकचेरींत भोंवन संवय जाल्ले हे आयकून ऐताळागेर येवपाक लागले. ''तुमगेलो लच्चा खंय आसा, ऐताळांनों? हे एक रिकॉर्ड वाचल्यार उपकार जातले'' म्हणत जाय ते जाण आयले. ऐताळांक केन्नाय दिसलो ना तितलो अभिमान दिसलो. शीनमय्यानय एक पटी दुसऱ्या कडसून तसले आपणालेंय काम करून घेतलें. थंय वचपाक लज दिशिल्ल्यान तांणी दुसऱ्या कडसून एक-दोन कागद पत्रां लच्चाक दाखोवन अर्थ समजून घेतिल्लो. मुखार एक दीस मुखेल रिकॉर्ड आपणेंच ताका दाखोवन घेवपाची तांकां उमळशीक लागली. ताजे खातीर तांणी एक उपाय काडलो.

उंडी झाडा पोंदा एक दीस ताका सोदलो. ''कितें? पडुमुन्नूरकाराक म्हजी वळख ना काय कितें? यो, घरा यो. आतां तुज्या वयाचे सगळे बेंगळुरा पावले. आमगेलो ओरटा थंय गेल्लो तूं जाणाच. आतां धाकल्याक, चंद्राकय धाडला. तुजे भयणील्या लग्नाक तुमगेर येवपाक जालें ना. आमगेरय आमगेल्या चल्याक लग्न आशिल्ल्यान घुसपलों'' म्हूण ताका फटाशी मारून घरा आपोवन व्हेलें. थंय बेंगळूरचें गोड खाजें मुकार दवरलें. लच्चाक तें खावन समाधान जालें. शीनमय्याले रिकॉर्डय ताणें वाचिल्ल्यान तांची इत्साय पूर्ण जाल्ली. त्या उपरांत लच्चा दोन-तीन पटी थंय वचून आयलो. राम ऐताळांक तें कळळें. ''लच्चा, कारण नासतना न्हय-नस्त्यागेर परतें परतें वचनयो. त्या शीनमय्याक आमकां पळयल्यार जायना'' म्हळें. पूण लच्चा आपणाक तांगेर मेळिल्लो आदर सत्कार विसरपाक शकलो ना.

शाळा सुरू जावपाक सप्तक आसतना मादप्पय्या कडसून लच्चाक आपोवणें आयलें.

''लच्चाक धाडून दियात'' म्हूण तांणी सांगून धाडिल्लें. लच्चा वचपाक तयार जालो.

घरचीं सगळीं परतून विचार करपाक लागलीं. ऐताळ खूब चिंतपाक लागले. ताका आज्यागेर दवरल्यार तो आपल्या उपयोगाक येवपाचो ना म्हळळो तांचो अणभव सांगतालो. पूण हाजे मुकार इंग्लीश शिक्षणाचो खर्च वाडटलो. उडुपींत आसल्यार थोडो भार मांवागेरचे घेतले. तरी पूण घरच्यांक विचारया म्हूण ''सत्या, कितें करया? तुज्या बापायन उडुपींतच ताका धाडचें म्हूण सांगून धाडला'' म्हळें. ''हांव कितें सांगू? ताका हें घर नाका जाल्लें पळोवन म्हाका कशें तरी दिसता...'' सत्यभामेन म्हळें. सरसोतीन ''हांव सांगपाचें तें सांगतां; तुमी कितें करपाचें तें करात. उडुपींत ताणें रावपाचें नाकाच. तो केन्नाय कितेंय तरी विचार करत बशिल्लो पळयल्यार, थंय ताणें रावचें नाका अशें दिसता. आज्यागेर अशें कितले दीस म्हूण दवरप? तें बरें दिसता?'' म्हळें. ऐताळांनी ''ताकाच विचारा, तो कितें करतात तें'' म्हळें. कुंदापुराविशीं लच्चाय जाणा जाल्लो. थंयसून आयिल्ल्या विद्यार्थ्यांतले एक दोग ताज्या वांगडा शिकताले. एक वर्स त्या गांवांत रावल्यार जायत अशें ताका दिसलें. पूण दुसरे घटकेक ''उडुपी जाल्यार उडुपी'' अशेंय म्हळें.

ऐताळांचें मनांत कुंदापूर चड आशिल्लें. ''चमकत वचपाक पुरो जायत जाल्यार फाल्यां ह्या गांवांत घोड्या टांगो येता खंय, न्हय? हांगसून सालीग्राम मेरेन चमकून गेल्यार थंयसून

घोड्या टांग्यार बसून कुंदापुरा गेल्यार जालें.'' उडुपींत आसल्यार हो आपणाल्या हाताक लागत म्हूण दिसना अशें थारायलें. पूण ''जेवणाक ताका खंय दवरप, खंयच्या हॉटेलांत? कुंदापुरांत कोटेश्वरकाराचें हॉटेल आसा, शिवाय कोटकारांचें ना न्हय?'' म्हळी आनेक अडचण तांका येवजलीं. दुसऱ्या दिसा सुब्राय उपाध्याय थंय आयले. राम ऐताळान मस्कऱ्यानी ''आज कसलें रिकॉर्ड हाडलां? खंयच्या तरी नंदुरायाल्या कालातल्या निकालांत न्हंयेतल्यान वचपी सगळें मिठा उदाक तुजेच मालकीचें आशिल्लें म्हूण दाखोवन सोड आमगेल्या लच्चाक'' म्हळें.

उपाध्यायान ''कितें, म्हाका रिकॉर्डाचेंच चड पिशें अशें म्हणटात काय कितें? कशेंय जावं, त्या शीनमय्याक एक रजिस्टर नोटीस धाडलें. तो तुमगेल्या लच्चालोच उपकार म्हणपाक जाय. आनीक एक गजाल विचारापक जाय म्हूण आयलो. म्हगेलो चलो आतां ज्या कुंदापूर ताशिलदारा कडेन रांदपाक आसा तांकां कार्कळाक वर्ग जालां खंय. त्या गांवांत ताका धाडपाचें म्हाका मनांत ना. शिवाय एक-दोगान म्हाका म्हळें 'ताका रांदपाक कळटा जाल्यार एक ल्हान हॉटेल घालपाक लाय. आतां कोटकारांक रावपाक एकय हॉटेल ना. कोटेश्वकारांचें सुरय शीत आनी ताकाकडी आमकां कित्याक?' म्हूण. हॉटेल दवरल्यार कशें? ह्या कोर्टा नंबरा खातीर हांवय कुंदापुरा येत वचत उरता न्हय? तो वयान आतां व्होड जाला. तशें केल्यार जावपाचें ना?'' म्हळें.

राम ऐताळान, 'जावपाचें ना?' म्हूण विचारिल्ल्याक ''जायनासतना कितें जालां? रांदपाक कळटा जाल्यार तशेंच करचें. आमगेल्या गांवांतल्यांनी कुंदापुरा गेल्यार सांजमेरेन उपाशीं रावन घरा कित्याक येवपाक जाय? तांकां जेवपाक एक जागो जातलो. पूण एक, जेवणाक स पावाण्यापरस चड मोल दवरल्यार कोणूच जेवपाक येवपाचो ना!''

''कोणूय आयलो ना जाल्यार चार शाळे भुरगीं मेळपाचीं नात? एकेक मुडी तांदूळ आनी वयर आठ आणे आयल्यार पुरो जावपाचे ना?'' म्हळें. ऐताळान ''पळोवया खानावळ घालपाक लाय. देवान उपकार केल्यार म्हगेल्या लच्चाक कुंदापुरा दवरया म्हूण केलां.'' म्हळें.

जेश्ट म्हैन्यांत पावस सुरु जालो. हायस्कूल सुरू जावपाचेय दीस लागीं पावले. लच्चालें मुखाल्लें कितें ते थारावपाचो दीसय आयलो. चल्याक घेवन ऐताळ पडुमुन्नूराक गेले. त्याच वेळार ''लच्चा ह्या वर्सा फेल'' म्हळी खबरय पावली. ऐताळाक तेन्ना जोगूल मारिल्ले भशेन जालें. लच्चाय गणमणलो. हें पळोवन आज्यान, ''फेल कोणूय जाता. इंग्लीश म्हळयार केळीं न्हय, सोलून गिळपाक. फेल म्हूण ताजें शिक्षण तितल्यारच सोडनाकात. धरिल्लें तें एक पूर्ण जावं दी. मेट्रिकेचे हुंबर तरी हुपूंदी तो.'' म्हूण चार उतरां सांगलीं. तें राम ऐताळान मानलें. पूण ''ताजी वाडिल्ली बुद्द उडुपींत हांगा-थंय व्हांवता आसतली. कुंदापूर ल्हान गांव; बेकार भोंवन वेळ व्होगडावपाक वाव नाशिल्लो गांव'' म्हळें. लच्चण्णानय ''हांव उडुपींत तेच शाळेंत वचपाचो ना'' म्हूण आज्याक सांगलें. फेल जावन तेच यत्तेंत बसपाक ताजें मन तयार नाशिल्लें. ''कुंदापूर जाल्यार कुंदापूर. थंय ताणें शिकल्यारय जाता. कितेंय जालें तरी शाळा मात सोडची नाका. फाल्यां ताजो लाब ताका जातलोच.'' म्हूण आज्यान म्हळें.

जालें, लच्चण्णा आनीक गांव पळोवपाक भायर सरलो. पावसांत बापूय आनी पूत पोंया

साते घेवन गेले. शाळा सुरु जावन एक सप्तक जाल्लें. थंय लच्चाक जागोय मेळोवन दिलो. सुब्राय उपाध्यायालें "कोट जातीचें जेवणा हॉटेल" सुरु जावंक नाशिल्ले. मनांत नासतना ताका कोटेश्वरातल्या नारायण गोटाल्या हॉटेलांत दवरले. "कोट मेळ्ळे ना जाले तरी गोट मेळ्ळे न्हय?" म्हूण मस्कऱ्यान म्हणत लच्चा त्या हॉटेलांत रावलो.

वर्सा सुरवेक निरुत्साही आशिल्ल्या लच्चान कशेय तरेन फाटलें अपयश पुसून मुखार येवपाचो विचार केलो.

लच्चाक नवो गांव, नदे वांगडी, जेवणाक नवें वातावरण मेळ्ळें. वांगडी सगळे ताका बरे आशिल्ले. ताणें रावपाच्या गोटाल्या खानावळींतच चार-पांच शिकपी भुरगे आशिल्ले. सगळयांत ल्हान तोच आशिल्लो. ताका आतां सोळावें वर्स. हेर सगळे वीस-पंचवीस वर्सां मेरेनचे आशल्ले. एक-दोग जाण बापूय जाल्ले. तांतलो एकटो अजानुबाहु तागेलो वर्गमित्र आशिल्लो. ताका घरांत एक स-सात वर्सांचो चलोय आशिल्लो खंय. हांतल्या कोणाकय एकच वर्सांत एक यत्ता करपाक जाय म्हळळी जाणविकाय नाशिल्ली. एकापरस एक सगळे रसीक. शाळेंत धिंगाणो घालून आयल्या उपरांत सांजे हॉटेलाचे माळयेर बसका जाताली. थंय बसून इस्पीक, ताबुलफळयांचो बी खेळ खेळटाले. "म्हाका वाचपाचें आसा" म्हूण लच्चान सांगल्यार "वाचून उद्धार जातलो तुजो! जून-जुलाय म्हयन्यांतच पुस्तक हातांत धरपाक खंयच्या भुताचो बादिकार जाला तर तुका?" म्हूण ताजी मस्करी ते करताले. कांय दिसांनी इस्पीक खेळपाचें शिकून घेवन वेळ सारपाक तांच्या वांगडा खेळप ताका बरें दिसपाक लागलें.

हॉटेलांतलें जेवण सदां एकच तरेचें आसतालें. तातूंत मिरसांग आनी आमसाणच चड आसताली शिवाय आनी कांयच नासतालें. जेवणा वेळार आनी जेवण जाले नंतर गोटाले बायलेल्या रांदपाविशीं भुरगे उलयताले. त्यो सगळयो खबरो सोंपल्या उपरांत न्हिदताले. लच्चा न्हिदलो तरी हेर सगळे इस्पिकांचें पारायण करताले.

लच्चा जावं ताचे वांगडी जनार्धन, रामण्णा, नरसिंव जावं सगळे उलोवपाक बंट आशिल्ले. गोटाल्या जेवणाविशीं उलोवन जालें तशें आपणाले शाळेंतल्या मास्तरांविशीं ते कुच्छित्रीपणान उलोवपाक लागताले. त्या मास्तराली खबर, ह्या मास्तराली बडाय हे टिकेचे विशय आसताले. हें सगळे जाय जायशें जरी लच्चाक दिसतालें तरी एकांत मात ताका समाधान नाशिल्लें. आज्यागेर जेवणा-खाणाक सवकल्ले ताजे जिबेक आनी अपुरबाय करून घेतिल्ल्या ताज्या जिवाक, हो गोटालो पातळ उदका सार आनी 'यो पुता, जेव पुता, आनी जाय पुता?' म्हूण म्हणपी कोणूच नाशिल्लें वातावरण खोस कशी दित?

देखून ह्या गांवांत आयल्या उपरांत पंद्रा दिसांनी एक फावटीं शेनवार आयताराक एक-दोन खासगी रजा मेळोवन तो पडुमुन्नूराक वतालो. थंय आपले हाल सांगून, येतना पापड, तूप बी घेवन येतालो. पूण ते ताणें सगळयांक दिवन खाल्यार एकाच दिसांत सोंपतले आशिल्ले. एकट्यान खावप साध्य जायनाशिल्लें. तरिकूय तूप तितलें कुशीक लिपोवन आपणालें जेवण बरे तरेन तो जेवतालो. रूच पळोवपाक वांगड्यांक दिवन पापड मात सोंपयतालो. तागेल्या वांगड्यांत तागेल्या वयाचो म्हळयार नरसिंह. मिरयां चिमटी भशेन हुशार. तो हाणें तूप भायर काडलें तशें "कोण बाबा हो घाणीची चरबी खावपी?" म्हूण नाक मुड्डितालो. "चरबी जावं, तूप जावं, घाण जावं... खावन पळय" म्हूण ताकाय

इल्ले तूप दिवन लच्चा आपूण खातालो. ते पळोवन शाणे जाल्ले हेरय, लच्चाक भिसडावन, चिडोवन वो तुस्त करून ताज्या तुपाचेर ताव मारताले. दर पंद्रा दिसांनी कोडीसाकून वो पडुमुन्नूर साकून हाडटालो तें अशे तरेन हेरांनी लुटिल्लें ताका बरें दिसनाशिल्लें. पूण करतलो कितें? ताका खावपाची इत्सा तर जाताली.

बापायन हाडिल्ले अष्टमीचे लाडू, चकली बी आपणें लिपोवन पेटयेंत घालप ताका त्रासाचें जातालें. कोणूय नाशिल्लो वेळ पळोवन खावप तर चडच अडचणेचें आशिल्लें. तरी लच्चालें तोंड ओगी रावनाशिल्लें. राती पांगरुणा भितर तरी तोंड हालयले शिवाय ताका समाधान जायनाशिल्लें. ह्या तीन चार म्हयन्यांत हॉटेलांत कितेंय खावप ताका जमलें ना. पेटयेंत दवरिल्लें खाजकें ना जावपाक लागलें. निमाणें हें सगळें सोंसपाक जायनाजावन ताका त्या गोटालें हॉटेलच सोडचें पडले.

तितल्यांत ताज्या नशिबान सुब्राय उपाध्यायाल्या चल्याचें हॉटेल सुरु जाल्लें. तांचो चलो किट्टाच हॉटेलाचो मालक. हॉटेल म्हळ्यार एक ल्हान खोंप; एक रांदची कूड, एक चौकी इतलोच थंयचो जागो. तातूंतच लच्चालें बिराड घुसलें. आपणागेलें हॉटेल म्हूण अभिमानान तो थंय आयलो जाल्यार, किट्ट उपाध्यायाक तवंश्या बियांचो सार, पणसा भिकणाची शाक, सुरणाचो रोस हांचे शिवाय हेर कांय खबर नाशिल्लें. तरी एक-दोन म्हयने मेरेन हो शिकपी भुरगो एकलोच आशिल्ल्यान आजेन वो आवयन बांदून दिल्ले खाजकें खावपाक ताका अडचण जाली ना. हें सूख चड दीस तिगलें ना. तागेल्या पयलींच्या हॉटेलांतले कांय वांगडी थंय पावले. आयिल्ल्या दिसाच "लच्चण्णा, तूं हांगा आयिल्ल्याचें कारण आमकां कळळें." अशें तांणी म्हळें. जालें, परतून वांटेकार आयले म्हूण ताका बेजार जालो. पूण इस्पिकांखेळाक वांगड मेळ्ळो. पयलींच्या हॉटेलांत, काम नासतना गोटाच इस्पीक खेळपाक बसतालो. पूण ह्या किट्ट उपाध्यायाक हो इस्पिका खेळच येना आशिल्लो. उलटे ताणें "तुमच्या पुताक तुमी इस्पीक खेळपाक शाळेक घाल्ले?" म्हूण राम ऐताळाक विचारलें. ऐताळान राग येवन चल्याक मना येता तें उलयलें. इस्पिकांक आफुडचो ना म्हूण ताजे कडसून सोपूत घेवन ते परतले.

दीस सोंपतात तशें लच्चालें बाजारांत भोंवप चड जालें. इस्पिकां वांट्याक भोंवप सुरु जालें. अशेंच भोंवप कशें जायत? व्हड भुरगे कामतील्या हॉटेलांत तानेक घेवपाक वताले तें तो वतना येतना पळयतालो. तशें हॉटेलांत खावप हें त्या दिसांनीं व्हडपणाचें लक्षण आशिल्लें. तागेल्या एका वांगड्यान एक पटी ताका हॉटेलांत खावपाची दिक्षा दिली. घरसून खाजकें हाडून, मेळटा ताका खावोवन आपणें उपाशीं उरचे परस, हॉटेलांतलें खावप बरें, तें रुचीक आसता म्हूण लच्चान लेक घाले. किट्टु उपाध्याय हेर हॉटेलकाराभशेन न्हय. रांदचेवेळार हिमटेपण करपाक तो जाणा जरी जाल्लो तरी आपणाल्या हॉटेलांतलीं भुरगीं घरांतलींच अशें मानतालो आनी तांचेर आपणालो अधिकार गाजयतालो. वांगडा आपलेपणय आसतालें. अशें जाल्ल्यान ताणें लच्चाविशीं दुसरी कागाळ ऐताळाक पावयली. लच्चा घरा आयिल्ल्या वेळार सरसोतीन दोळयां दुकां गळयलीं. " लच्चा, तुवें कोंकण्यांगेल्या हॉटेलांतलें खाण खावप? तुका जातीचेंय आसनाका!" म्हूण ती रडली. "ना, आक्का" म्हूण लच्चानच तिचें समाधान करचें पडलें. हे वटेन ऐताळान तर नरसिंवाचोच अवतार घेतिल्लो.

जालें, लच्चाक ह्या कटकटींनी जिणेची उबगण आयली. ताणे किट्टाली खानावळ

सोडपाचो विचार केलो. ताणें सोडल्यार ताजो वांगडी नरसिंह आनी ताजे फाटल्यान आनीक एकटोय ती खानावळ सोडटलो. अशें जायत तर किट्टाली खानावळ रिती जाता. ह्या भंयान ताणें ऐताळांक सांगलें ''हांव अशें करचें न्हय, तशें करचें न्हय म्हूण सांगतां म्हूण म्हजी खानावळच नाका म्हूण तुमच्या पुतान थारायलां जातलें.'' ऐताळान ताजेर विचार कर कर केलो. कोणाली तरी देखरेख पुतार आसपाक जाय म्हूण, ''तुवें किट्टाल्या हॉटेलांत रावचें पडटले. खावपाक जाय तें घरांतल्यान करून व्हर. आमी ल्हान आसतना खाण खावनच व्हड जाल्यात काय कितें?'' म्हूण पुताक गवजी घाली.

लच्चाक उभय संकट जालें. 'ही आनी कसली मलामत सायबा' अशें दिसलें. तोंडाची खाज सुटना; हॉटेलांतलें खावपाक जायना. किट्टाल्या तोंडांतल्यान सुटपाखातीर ताणें एक उपाय काडलो. दुसऱ्या कडसून कामतील्या हॉटेलांतले आंबोडे वो हेर कितेंय हाडून घेवन तो खावपाक लागलो. घरांत विचारल्यार 'देवाच्यान तर हांव हॉटेलांत गेलो ना.' म्हणपाक जाता न्हय?

तें कितेंय जावं, ताका आनीक एक प्रस्न सतावपाक लागलो. हॉटेलाच्या खाणाक दुडू खंयचे हाडप? हाडिल्लें खाण एकट्यान खावपाक जायना; दोग तिगांक दिवचें पडटा. हो खर्च कसो करप? ऐताळांचें कितें सांगचें? ते जेवणाचे पैशे भायले भायर किट्टाल्या बापायक दिताले. पुस्तक, दिव्यातेल बी हाडिल्ल्याचे पैन पै लेक घेताले. आज्यागेर दिताले तशे दुडू दिवपी कोण नाशिल्लो. ह्या त्रास परस आपणें उडुपींत रावल्यार बरें जातले आशिल्लें अशें लच्चाक दिसपाक लागलें.

हें हायस्कूल शिक्षण म्हळयार कितलो दुडू लागता म्हळें ऐताळांक आता कळपाक लागलें. दुडूय तांकां रुपया मोलाचो दिसतालो. सत्यभामेन परतें परतें सांगून लच्चाली पयशांची मागणी मान्य करून घेवची पडटाली. पुस्तकां घेवपाक हाडिल्ले दुडू पुस्तकां घेवपाक पुरो जायनाशिल्ले. शाळेंत फी दिवपाक म्हूण हाडिल्ले दुडू खावपाकच सोंपताले. अशे तरेन लच्चा त्रासांत घुसपलो. घरांत सांगून उपयोग ना अशें दिशिल्ल्यान तो वेल्यावयर आज्यागेर वचून थंय पटी वसूल करपाक लागलो. मोगा नातवाक आजो-आजी वेल्या खर्चाक म्हूण एक-दोन रुपय दिताले. हाका लगून लच्चाक बापायविशीं आपलेपण दिसना जालें. आपणाल्या बापायक जिवा परस दमडी चड मोलाची म्हूण एका वेळार शीनमय्यान म्हळें समा अशें ताका दिसलें. बापायविशीं आशिल्लो ताजो अभिमानय उणो जायत गेलो. कितेंय जावं आपली दुडवां अडचण ना जाली म्हूण ताका बरें दिसलें. फट उलोवनच असल्यो अडचण्यो ना करपाक जातात म्हूण ताका कळपाक लागलें. किट्टु उपाध्यायाली कटकट कशी ना करप हाजो तो विचार करपाक लागलो.

कुंदापुरांत सात-आठ म्हयने काडल्या उपरांत घरा वता तेन्ना ''ह्या वर्सा हांव नापास जाल्यार तुमी म्हाका कांय म्हणचें न्हय. किट्टाल्या हॉटेलांत जेवपाक येवन वचपी लोकालो बोवाळ सोंपना. थंय पुस्तक वाचप जमना. त्या कटकटीनी म्हाका वाचपाक वेळ मेळनासतना हांव नापास जालों जाल्यार म्हाका नांव दवरनाकात'' म्हूण तो म्हणत आसतालो. राम ऐताळांक परत पुतालो हुसको जावपाक लागलो. तेच जावन एक फावटीं किट्टा कडेन आयले. हॉटेलांत कोणूय जेवणाक येताच. एक दोग शाळे भुरग्यांक जेवण घाल्यार हॉटेल कशें चलत? आयिल्ल्यांनी तोंड उगडनासतना रावचें म्हळयार जाता?

हॉटेलांत जागो ना. "तूं एक दोग बऱ्या भुरग्यांक वांगडा घेवन लागींच एक खोली पळय. ताका म्हयन्याक एक आठ आणे भाडें दिवचें पडल्यारय जायत. पूण नापास जावन ओतिल्लो दुडू सगळो व्हाळांत धुवन वचत अशें मात करनाका" म्हूण तांणी पुताक उपदेश केलो.

किट्टाक हें मनाक लागलें. पूण ही मलामत आपणाल्या हॉटेलांतल्यान गेली म्हूण बरेंय दिसलें. लच्याक ह्यो सगळयो खानावळयो एकच आशिल्ल्यो. पूण आतां "वेगळीच खोली केल्ल्यान कोणाचीच कटकट नासतना रावपाक मेळटलें न्हय" म्हूण ताका दिसलें. चा हॉटेलांतलें खाण खावपाकय कोणाली अडचण नासतली. इस्पीक खेळाचीय सोय जातली. बापायल्या सांगण्या प्रमाण ताणें तीन बरे वांगडी सोदून काडले. नरसिंह, जन्ना आनी श्रीनिवास हे तिगय जाण आदलींच सवंगां!

वर्सा अखेर आयलो. वर्सभर इस्पिकांत वेळ सोंपिल्लो. आतां न्हीद खळून दीसरात पुस्तकांतले ते किडे जाले. परिक्षे दीस तर न्हीदनासतना लच्याले दोळे सुजिल्ले. परीक्षा जावन एक पटी वयर सरलो जाल्यार कुंदेश्वर देवाक एक नाल्ल-फळाची लांच दिवपाची सांगणीय ताणें केली.

कितेंय जावं, जून म्हन्यांत चलो चवथे यत्तेक पावलो म्हूण खबर आयली आनी ऐताळाली काळजी ना जाली.

लच्या सामखार मॅट्रीक मेरेन पावपाचो फुडार आसा. आनिकूय तीन वर्सांचो वावर. वांगड्यांच्या आधारान, कामतील्या कॉफी हॉटेलांतलें खाण रुचीन खायत, खेळत, मजेंत हे दीस धुकळपाक हरकत ना म्हूण ताणें थारायलें. बापायच्या भंयान ही रजा ताणें गांवांतच रावन सरयली. मदीं मदीं आजोळा वतालो. फाटल्या वर्सा भशेन अज्ञातवास मात अणभवाक आयलो ना. तरी सरसोती "चल्याक कुंदापूर बऱ्याक पडलें ना अशें दिसता. चलो ओडून काडिल्ले भशेन किडकिडीत जाला. दीग जावन घसघशीत जालो ना" म्हणटाली. "काकुळट ताजी; हॉटेलातलें जेवण जेवन कोणूय घसघशीत जायत?" म्हणत पारोती तिजें समाधान करताली.

पारोती आतां म्हातारे भशेन दिसपाक लागिल्ली. येवजणेन तिगेले केंसय पिकिल्ले. लच्या घरा आयल्यार ताजे कडेन आदले भशेनच ती उलयताली. पूण लच्या मात सगळयां कडेन वेल्या उपचाराक उलयता. सत्यभामा दोग भुरग्यांची आवय जावनय घरच्या कामाचो व्याप सांबाळत दोगांय कडसून पैसच उरताली. पारोती खूबच थकल्या. सरसोतीक वय जालें तरी तिजें सडसडीतपण उणें जालें ना. सगळीं आपापलें काम करत उरतात. तरी पूण सत्यभामा नेणटी जाल्ल्यान इल्लें इल्लें करत तिजेर चड कामाचें वजें पडटालें. "देवा, हो संसारा ताप सोंपतलो केन्ना?" म्हूण ती उद्गार काडत उरताली. जिणेक धादोसकाय दिवपी भुरगींय लागीं नात; आशिल्लींय व्हड जालीं न्हय? केन्नाय सुब्बी घोवागेरच्यान आयल्यार धुवेचेर ती मोग ओतताली. त्या वेळार तिका समाधान आसतालें. हेर वेळार तीवूय हेरांभशेनच आसताली.

लच्या मे म्हयन्या रजेंत घरा आयिल्ल्या वेळार "अण्णा, लच्याक सोळा-सतरा पिराय, तागेलें लग्न कित्याक करचें न्हय? पळयतां, पळयतां तुगेले केंस पिकपाक लागल्यात. सुब्बीचो हुसको मेकळो केल्लेभशेन हातुंतल्यानय मोकळो जाल्यार जायना?" म्हूण

सरसोतीन म्हळें. लच्चाकडेनय ती खबर काडली. वयल्यान मनांत ना अशें जरी दाखयलें तरी आपणाल्या कांय वांगड्यां भशेन आपणेंय एक घोव कित्याक जावचो न्हय म्हूण ताका मनांत दिसतालें. एक लग्ना उपरांत परत दुसऱ्या लग्नाखातीर आशिल्लो पैसो खर्च करप ऐताळांक तितलें मनांत नाशिल्लें. पुताल्या शिक्षणाखातीर जाता तो खर्चच तांका चड दिसतालो.

हाका लागून लग्न जायनासतना लच्चण्णान कुंदापुरांत दुसऱ्या वर्सात पांय दवरलो. चवथी साकून सवी यत्तेमेरनचीं तीन वर्सां थंय पुतान काडत तर एक व्हड काम जाल्ले भशेन जातलें म्हळळी उमेद बापायक आशिल्लीं. लच्चाक मजा करपाक जाय जाल्यार पयसो मेळटालो. दर म्हयन्याक आनी दर सप्तकाक तागेली पुस्तकांची वळेरी सोंपनाशिल्ली. "ती फी, ही फी" म्हूण निमित्त सांगून सरसोतीक मदें घालून बापाय कडसून दुडू उठयतालो. आजोळासाकूनय पयसो मेळयत उरतालो.

एक पटी राम ऐताळ पडुमुन्नूराक गेल्ल्या वेळार "पयर शेनवार दिसा नातू आयिल्लो. हॉटेलांतलें जेवण ताका बऱ्याक पडना खंय. चलो आंगान सामकोच भागला. इल्लें तूप दिलें व्हरपाक" म्हळें.

राम ऐताळान "कसलें इंग्लीश सायबा! जेवण, पुस्तक म्हणत म्हयन्याक धा पंद्रा रुपय वचत आसात. शिक्षण सोंपमेरेन आनी कितले लागतले कोण जाणा! फाटल्या म्हयन्यात पुस्तकाक म्हूण धा रुपय व्हेल्ले." म्हळें.

तांच्या मावान "तुमी थंयसूनय पैशे दितात? पुस्तक, खाण जेवणाक म्हूण हांव पैशे दितां न्हय!" म्हळें. ऐताळांक काळजांत धस्स जालें. "तुमी कित्याक दिवपाक जाय? फाटल्या वर्सा साकून दिव्या तेल धरून सगळया खर्चाक हांवच दितां." म्हूण तांणी म्हळें. दोनूय कडसून अशे तरेन पूत लूट मारता म्हूण ते नकळ आशिल्ले. आजोळच्यांकय अजाप जालें. "बापायकडेन मागल्यार पानदुडूय दिना." म्हूण आजोळसाकून पैशे व्हरपी नातवा विशीं आतां मादप्पय्याकूंय दुबाव मारपाक लागलो. "कसल्या कामाक म्हूण हो इतलो दुडू वाट लायता! कॉफीच्या हॉटेलांत बी काय?" तांणी म्हळें. ऐताळांनी "एकट्याक कॉफीक म्हूण कितलो पैसो लागत? चड करून तो तवनास पोरां वांगडा भोंवन, सगळयांक घेवन कॉफी-गिफीचो दरबार चलयता आसतलो." म्हळें.

"ही आनी कसली दुर्बुद्ध जाली ताका? खंयच्या दळदिऱ्या पोरांचो वांगड मेळलो सायबा!" म्हूण आजोय कळवळलो. ऐताळांकडेन "हाजे फुडे तुमी एक दुडुय थंयसून दिवं नाकात. दासप्पय्या मास्तराक विचारून कितले दिवपाक जाय तितलेच दुडू हांव दितां. तुमी फकत जेवणाचेच पैशे दिल्यार पुरो" म्हळें.

"किट्टु उपाध्यायाले बापूय आसात न्हय, ते त्या दिसा आमगेल्या सुब्बील्या लग्नाक आयिल्ले पळया, त्या सुब्रायाकडेनच जेवणाचे पैशे हांव पावयतां." म्हळें.

जालें, पुताविशीं ऐताळांक चडच हुसको जालो. ते घरा पावले. आपणाल्या चल्याल्या हॉटेलांत वचपी सुब्राया कडेन "मुखाल्ल्या शेनवारा घरा येवन वच" म्हूण लच्चाक सांगणें धाडलें. लच्चाक तेन्ना जरा भंय दिसलें. "शेनवारा हांवें वचप कशें? म्हयन्याची परीक्षा आसा" म्हूण जाप दिवन तो ओगी रावलो. त्या म्हयन्यांत कॉफी हॉटेलांतलें देणे चड जाल्लें; ताका दुडवांची सामकीच गरज आशिल्ली. तो नीट पडुमुन्नुराकच गेलो. थंय

आजेकडेन "परिक्षेक अमके इतले पैशे जाय" म्हूण सांगलें. मादप्पय्यान पयलेच पटी ताका वयर सकयल केलें "तुज्या बापायकडसून पैशे घेवनय, हांगा साकून घेता फटी मारून!" म्हळें. तांचे सामखार लच्चाक उतरच फुटलें ना. मनाक खूबच लागिल्ले भशेन तो होऽऽ करून रडलो. वरां वरां मेरेन पोल्या वेल्यान दोळया दुकांचो व्हाळ व्हांवलो. मादप्पय्यान आपणालो उपदेश सुरु केलो. "म्हजेर भरवसो नासत जाल्यार हांव शाळेकच वचना" म्हूण लच्चा हट्ट घेवन बसलो. निमाणे नातवाचो कळवळो पळोवन आजेन "तुमी कितेंय म्हणात, लच्चान दुडू न्हय-नस्ते कडेन खर्च केल्ले नासतले. दूद-धंय चड पिलो आसत. चड दुडू मागल्यार तांगेल्या बापायक राग येत म्हूण भिवन, थंय थोडे, हांगा थोडे पैशे मागून घेतले आसत." म्हळें. जालें, वांकडी वाट तिणेंच दाखयली. लच्चान परतून हुंदकेत हुंदकेत आपूण चड संभावीत अशें दाखयत, बापायली कागाळी सांगत कुंदापुरांतलो खर्च फुगोवन दाखोवन, दोळया दुकां काडून आज्यालें मन जिकलें.

चवथे यत्तेची परीक्षा सोंपली. लच्चाल्या कारभारांत कसलीच अडचण आयली ना. बापायकडसून मेळपाचे पैशे मात येना जाले. मादप्पय्यान हात सांबाळून दुडू दिल्ल्यान गांवा येतना हॉटेलकारांचे वीस-पंचवीस रुपय देणें करून आयलो. येत्या वर्सा पुस्तकांचें मोल वाडोवन सांगून तें पावोवचें अशीं ताणें येवजण घाल्ली.

त्या वर्सा गिमांत ऐताळांचे जिणेत जायते चड-उतार आयले. एकेवटेन येवजलें ना तितलो लाब, जाल्यार दुसरे वटेन न्हय नस्तें लुकसानय जाले. "ह्या गिमांत लच्चाक लग्न करपाकच जाय" म्हूण सरसोतीनय म्हळें. "तुमी सांगतात तें आयकल्यार,पोरान आडवाट धरची न्हय म्हूण रोखडीच काळजी घेवपाक जाय." म्हूण सत्यभामेनय म्हळें. पूण ऐताळान "खंयच जातक सारकें जुळना" म्हळ्ळें निमित्त सांगून ती येवजण मुखार धुकळ्ळी. एका भाटार तांची नदर आशिल्ली. गांवच्या व्हाळा उदेंते देगेर आशिल्ली कोणाली तरी जमीन विकपाक काडिल्ली. ती कोणाकडेनय घाणाक दवरपाकय ताजो मालक तयार आशिल्लो. ही खबर ऐताळाक कळतकच "दोन हजाराक देड कुंभ भात घरांत येता तें सोडप न्हय" म्हूण आपणालो पैसो एकठांय करपाक लागले. रीणकारांक सतावन "आमकां सामकीच गरज आसा" अशें सांगून येवपाचे दुडू सगळे एकठांय केले आनी ती जमीन घाणाक घेवचीच म्हूण थारायलें. गिमांत एक दीस भाव आनीं भयण ती जमीन पळोवपाक गेलीं. वांगडा यो म्हूण सरसोतीन लच्चाक आपयलें.

ते राती घरा येवन सरसोतीन नंण्डेकडेन "तसली जमीन मेळपाची ना; जमनीर घाल्लो पैसो खंयच वचना" म्हूण सांगलें. ताजें मोल दिल्यार तीन हजार, रीण दिवन घाणाक घेतल्यार दोन हजार. खंयचें बरे जायत? म्हूण तांच्यांत उलोवणीं जालीं. उण्या दुडवांत जावपी कामाक ऐताळ तयार उरतात. पुण सरसोतीन हुसको परगटायलो. "फाल्यां शीनमय्यानच ते सगळे पैशे दिवन ती जमीन घेतल्यार..." म्हळ्ळो दुबाव उकतायलो. तिगेलें सांगणें ऐताळांक मानचें पडलें.

"जावं, विकत जाल्यार विकत घेंवया" ऐताळान म्हळें.

आपणालें लुकसान करून घेनासतना शीनमय्या सामखार आपणालें व्हडपण मिरोवपाक ते सदां तयार! एका सप्तका भितर ती जमीन रजिस्टर करून विकत घेवनय जाली. ही खबर गांवांत बरीच गाजली. "त्या पिश्यान ऐताळांक तीन हजाराक जमीन दिली! पांच

हजार दिवपाक हांव तयार आसतना म्हजे कडेन ताणें एक उतर म्हणचें न्हय आशिल्लें?'' म्हूण शीनमय्यान उलोवनय जालें.

जमीन घेवपाची थाराइल्ले रातीं लच्चण्णा थंयच जगलेर न्हिदिल्लो. ताका आपणाल्या बापायविशीं तो 'आशेखोर' म्हळी भावना आशिल्ली शिवाय बापायक 'हजारां'चीं उलोवणीं करपाची तांक आसा हाजी कल्पनाय नाशिल्ली. ''बापूय दोन-तीन हजारांचें उलयता; पूण तितले दुडू ताजे कडेन आसत?'' म्हूण तो विचार करत आसतनाच ऐताळांनी एक दीस ''सरसोती, आज दनपारां जमनीचे रजिस्टर कागद जाले. तीन हजारांचेर पंचविसेक रुपय चड खर्च जाले आसत'' म्हळें. लच्चाक त्या उतरांचेर भरवंसो बसचो न्हय असलें तें उलोवणें आशिल्लें. तो आज्यागेर वाडिल्लो; बरो दर्बार ताणे थंय पळयिल्लो. पूण हजार-हजार रुपय मेजपाक आजोय फाटीं सरतालो हें तो जाणा आशिल्लो. अशा वेळार बापायन तीन हजार रुपयांचो वेव्हार केल्लो आयकून ताका बापायविशीं अभिमान आनी तिरस्कार दोनूय दिसलो. 'इतलो पैसो आसून अशें पोट मारून जगप! हांवें म्हयन्याक फकत आठ-धा रुपय मागल्यार बापायल्या दोळयांतल्यान उज्याकेंडा भायर सरतात' म्हूण ताका वायट दिसलें. आपूण गंगिबागेरचो न्हय म्हूण दिशिल्ल्यान मनांत खोसय जाली. हे गिरेस्तकायेंतलो एक अंश तरी आपणाल्या हाताक कसो लागत हाजी येवजण तो घालपाक लागलो. त्या उपरांत जाय ते दीस मेरेन ताका तोच एक विचार सतायतालो. बापायन घरांत आनी घराभायर वतना येतना राखून रावन आनी लिपून पळोवनय तांगेल्या खजान्याची सुवात ताका मेळी ना. घरांत एक कपाट नाशिल्लें, एक पेट नाशिल्ली. शिवाय बापायक आंकड्यांचें सारकें गिन्यानय नाशिल्लें.

ऐताळान जमीन विकत घेवन आठ दीस जाता म्हणसर गुरवार आशिल्ली सुब्बी कुळारा आयली. तिगेली अर्थ अपुरबाय करपांत ऐताळांन, लच्चाले आवयन, व्होडाम्मान आनी आत्यान दाखयिल्ली उमेद सांगचेली न्हय. तिगेली इत्सा पूर्ण करपाक करनाशिल्लें खाजकें नाशिल्लें; करनाशिल्लो उपचार नाशिल्लो. हाका लागून लच्चांत एके तरेचो मत्सर घुसघुसलो 'चल्या भुरग्याक कितें खाण जेवण लागना तर?' हो विचार येवन बायलांविशीं ताज्यांत तिरस्कार निर्माण जालो. केल्लें खाण आदीं सुब्बीक दितात तें पळोवन तर लच्चाक खूबच वायट दिसलें: ताका वाडपाक आयले तेन्ना एकेक पटी ''म्हाका किट्टालो तवंश्या बियांचो सारच पुरो'' म्हूण विखाळ उतरां उलोवपाक लागलो. तेन्ना तागेले आवयनय रागान ''पुता, ही वायट बुद्द तूं खंयचान शिकलो?'' म्हणचें पडलें. लच्चाक चडच राग आयलो शिवाय तो थंड जालो ना.

हेवटेन नातवाचें तोंड पळोवपाची ऐताळांक लागिल्ली उमळशीक सांगपाची न्हय. सुब्बी बाळांत जावन, तिका चलो जाल्लो दीस घरांतल्या दर एकट्यान अणेगुड्डे गणपतीची स-स पटीं स्तुती केल्ली. ही बरी खबर कळोवपाक लच्चाक मंदर्ती धाडपाचो विचार करून ''लच्चा, तुवें जल्मा आयिल्ल्या वेळार तुगेल्या मामानच येवन म्हाका ती खबर सांगिल्ली. आतां मंदर्तीक वचून तूं तुगेल्यां भावोजीक ही खबर पावय पळोवया'' म्हूण ऐताळान म्हळें.

''मंदर्तीक वचपाची वाट हांव नकळों'' लच्चान म्हळें.

''सुराक वांगडा घेवन वच. सूरा वाट जाणा'' बापायन सांगलें.

''म्हाका चलपाक जायना'' ताणें परतें म्हळें.

"कुंदापुरसाकून पडमुन्नुराक चलत वतल्याक, हांगचे हांगा वचपाक जायना?" ऐताळान विचारलें.

"मारगार हांव भोंवलां. पूण म्हाका दोंगरा वाटेन वचपाची संवय ना."

बापाय-पुता मदें पेटिल्लो हो पैलेचो वाद. सत्यभामेन रागान "ताका कित्याक सांगतात? सुब्बी गुरवार आसतनाच तिका पळयल्यार ताका जायनाशिल्लें. तो हें सांगपाक वतलो?" म्हळें.

सरसोतीन "नाका अण्णा, बरी खबर जाणटेल्यांनीच वचून सांगपाक जाय. तूं हांगा राव; बाळांतीक चड-उणें कितेंय जाल्यार वखद विरसद करपाक नाका? हांव रोखडीच वचून येतां" म्हूण सांगून वचपाकच लागली.

ऐताळ हट्टाकच पेटिल्ले. "लच्चा, मंदर्तिचें तें कारण सांगलें. आतां आजोळा वचून तरी सांगपाक जायत? नातील्या चल्याचें तोंड पळोवपाची इत्सा तुगेले आजेक आसले शिवाय रावची ना" म्हळें. सत्यभामेन "कित्याक तो? थंय सुराक धाडून दियात; हो काय घरचो न्हय; असोच रावं दी पडून हांगा" म्हळें.

ऐताळान "तो वचून सांगून येना जाल्यार ताका दनपारचो गोटो दाखोवं नाकात" म्हळें. लच्चा सामकोच रागार जालो. तागेले दोळे व्हड जाले. "हांव जेवण ना जाल्यार मरचों ना" म्हणत रागान बाजून गेलो. तो कितें करता तें पळोवया म्हूण ऐताळ हट्टान रावले. तो जेवपाक घरांत आयलोच ना. आज्यागेर गेलो आसतलो म्हूण पारोतीन म्हळें. "ताजेर दमडीचोय भरवंसो दवरनाकात. तो चुकून ह्या घरांत जल्माक आयलो आसत. सुराक पडुमुन्नुराक धाडून दिवंया" ऐताळान म्हळें. पडुमुन्नुराक खबर कळोवपाक सुरा गेलो.

त्याच दिसा सांजे परतून येवन "आमगेले लच्चाराय थंय जगलेर आशिल्ले. हांव वचून व्होड धनयांक मेळ्ळों 'सुब्बी केन्ना बाळांत जालें?' म्हूण तांणी विचारलें. व्हडले घरकान्नीक बरें नाशें दिसता. 'चार दिसांत पावता' म्हूण व्होड धनयान निरोप दिला" म्हूण थंयची खबर सुरान सांगली.

"लच्चा थंय वचूनय सुब्बी बाळांत जाल्ली खबर ताणें तांकां सांगली ना, पळयलें!" म्हूण चल्याचेर ऐताळ चडच तापले. मांय बरी ना म्हूण आयकून ते रातींच पडुमुन्नुरा वचून येवपाचें तांणी थारायलें. पूण जांवय येवन पाव मेरेन वाट पळयली. मध्यानरातीं जांवया वांगडा सरसोतीय आयली. आयिल्ल्यांचो आदर सत्कार जालो. दुसऱ्या दिसा ऐताळांनी सरसोतीक आपोवन "सत्याले आवयक बरें ना. सुरान येवन सांगलां. हांवें तिकाय सांगलें ना. वचून कितें जालां ते पळोवन येतां. तूं घर सांबाळ" म्हूण तिका सागून आपणालें कर्तव्य करपाक ते भायर सरले.

उण्या मोलाक मेळिल्ली जमीन आनी आपणाक जाल्लो नातू ह्या उत्साहाचेर विरजण पडपाचो प्रसंग तांचे मुखार थंय आयलो. तांची माय चड बरी ना जाल्ली. तिजें साठां परस चड वय जाल्लें. आयिल्ल्या जोरान आनी दुखण्यान ती वळवळत मरणाचे देगेर पाविल्ली. तिगेली कूड तिका मरणाकडेन व्हरता आसतनाय, मनांत मात अजून जगपाची इत्सा धरून ती आशिल्ली. जांवयाक पळोवन, "रामा, तूं आयलो!" म्हळें. "रामा, हांव हांतुतल्यान बरी जावची ना? रामा, सुब्बील्या चल्याक पळोवपाक जाय आशिल्लें न्हय! त्या उपरांत हांव मरून गोबर जाल्यारय जाता" म्हूण परवंत उलोवपाक लागली.

राम ऐताळान धीर दित ''मामे'' कित्याक तुमी काळजी करतात! तुमकां कांय जावपाचें ना. चोरडाक तूं पळयतली. तुका पळोवपाची उमळशीक सुब्बीकय लागल्या'' म्हळें.

''त्या पोराचें तोंड पळोवपाकच देवान म्हाका आतां मेरेन वांचयल्या जायत. ना जाल्यार फाटल्या वर्साच हांव मरतली आशिल्ली न्हय?'' तिणें म्हळें.

म्हातारेक पणतूचोच ध्यास लागलो. त्या दिसा साकून ऐताळ हांगसून थंय, थंयसून हांगा अशें यो वचप करपाक लागले. ते थंय गेल्ल्या वेळार लच्चा लिपूनच रावतालो. ताजो विचार तांचे तकलेंत आयलोच ना. सत्यभामाय मदींमदीं आवयगेर वचून येताली. निमाणे हांतुळणार पडिल्लेची इत्सा चडच जाली. ''म्हाका अशेंच मरपाक सोडटात! पणतूक हांवें घेवंचें नाका? आनी कितें उल्लां? चड म्हळयार एक दीस हांव जगन'' म्हूण ती रडपाक लागली. मुखार बशिल्ल्या मादप्पय्याक आनी जांवयाक कितें करप तें सुचना जालें. तिगेले दीस सोंपल्यात म्हळळें फट न्हय आशिल्लें. पूण व्हाळ हुपून कोणें कोणाली भेट घेवप? चार दीस जाल्या पणतून? काय मरणा तोंडार आशिल्ले म्हातारेन? मादप्पय्यालें धैर्य सगळयांपरस खर. पुताक आपोवन, ''पुता, मेण्याक सांगून धाड. ती एक आशा दवरून तिणें मरचें नाका'' म्हळें.

सांजे दीस देंवता आसतना, सूर्याची खरसाण उणी जाली तशें, मादप्पय्यान दिबण भायर काडलें. मेण्यांत म्हातारेक न्हिदोवन कोडीक घेवन वचपाची धिटाय केली. वांगडा जांवय आशिल्लोच. मदीं वाटेरच कितेंय जाल्यार... म्हळळी भिरांत सगळयांक आशिल्ली. पूण पणतू कडेन वचया म्हूण म्हातारेक सांगलें तेन्ना तिणें हांशिल्लो हांसो आनी तेन्ना तिगेल्या दोळयांत दिशिल्ली लिकलिक आगळे सोबीतकायेचें दर्शन घडयतालें. तिळसांजेचो उजवाड ना जावचे पयलीं सुब्बी म्हन्यांत मेण्यांतल्यान म्हातारेक देंवयली. कुशीकच सुब्बीलो कुकुलो भुरगो! मुखाल्ल्या त्या झिळमिळपी उजवाडांत म्हातारेन आपले ओले जाल्ले दोळे उगडले आनी ''हातांत दि... व... श्या... त?'' म्हळें. सत्यभामेन कुकुल्याक तिगेल्या हाता सामखार धल्लें. म्हातारेची नदर ताजेरच थिरावली. भोंवतणी आशिल्ल्या सगळयांच्या दोळयांत दुकां थेंब गळळे. म्हातारेन ''म्हजी इत्सा पूर्ण जाली'' म्हळें. तशेंच एका खिणांत दोळे धांपले. परतून दोळे उगडून ल्हवू आवाजांत ''हांगा नाका, थंय वचया'' म्हूण घोवाक सांगलें.

आयिल्लें दिबण परत गेलें. मेणो पड्डुमुन्नुरच्या घरांत परत पावलो. तातुंतल्यान तिका उखलून हातुळणार न्हिदयली. म्हातारेक घरघर लागली. तिगेले जिणेंतली हुनसाण न्हिवली. मादप्पय्या शंभर पटीन जाणटे दिसपाक लागले. राम ऐताळ ल्हान भुरग्याभशेन जाले. त्या दिसा थंय जावं हांगा दिसनाशिल्लें एकच तोंड म्हळयार लच्चालें!

आजी सोंपली हें आयकून सुब्बीक आकांताचें वायट दिसलें. ''म्हजें नशीबच फुटकें!'' म्हणत ती खोळशेवन रडली. ''तुका भुरगो जाल्यान तिगेली निमणी इत्सा पूर्ण जाली न्हय!'' म्हूण सरसोतीन तिजें समाधान केलें.

राम ऐताळांनी नातवाचो बारसो केलो आनी थंयच्या बाराव्या खातीरय धांवपळ केली. एक सुख दुसऱ्या दुःखात विरगळून गेलें. हांसत वयर सरिल्लें समुद्राचें पाळ वयर सरिल्ले परस चार पटीन जोरांत सकयल आपटून माती कोंचावन समुद्रा तळांत व्हरता ते भशेन तांची खोस फुल्ली आनी बावली. ''आतां मांव एकटेच कशे दीस सारतले?'' म्हळळो

विचार तांकां आयलो. "म्हाकाय कितें कमी पिराय? साठांपरस चड. ह्या संसारांतले मायेंतल्यान मोकळो जावपाचो वेळ येवचो ना काय?" म्हूण मदीं मदीं विचार करतनाच तांकां लच्चाली याद आयली. "खंय तो?" म्हळें. पारोतीन येवन "थंय आसतलो. थंय आज्याल्या दुःखावेळार लागीं तरी उरू...ं" म्हळें. तेन्ना ऐताळांक आजेल्या मरणावेळारय तो थंय दिसलो नाशिल्लो हाजी याद आयली. "आजेक सूख दिवन जालें, आतां तो आज्याक सूख दिवपाचो आसा! उपकाराची जाण नाशिल्लें सुणें तें" तांणी म्हळें. तांच्या कळवळिल्ल्या मनाक समाधान दिवपाक पारोतीन बरोच यत्न केलो.

तातूंतच सरसोतीन "अण्णा, जितले बेगीन जातले तितले बेगीन लच्चालें लग्न कर. ह्या संवसारांत कोणालोच नेम ना" म्हळें.

"तूं पिशें सरसोती. आमकां लागूनच हो संवसार चलता?" तांणी म्हळें. शिवाय "ह्या गिमांत लग्नाचो प्रस्तावच नाका" म्हूण वेल्यान म्हळें. खूब दिसा उपरांत आज्यागेरसून लच्चा आपणाल्या घरा आयलो. सप्तका भितर रजा सोंपून शाळा सुरु जाता. वचचे पयलीं दुडवां खातीर तरी बापायक मेळळे बगर निर्वाय नाशिल्लो. तरी राम ऐताळांनी तो आसा म्हळळें लक्षांत घेतलें ना. तांचें लक्ष आपणा कडेन वचपाक जाय म्हळळ्या इराद्यानच तो मुद्दाम दिसाक आंट-धा पटी शीनमय्यागेर वचून येवपाक लागलो. शीनमय्याल्या तोंडारय मिरयो पडपाक लागिल्ल्यो. पूण तांचो आवाज, गडगड, तसोच आशिल्लो शिवाय व्हाळा पलतडची जमीन तीन हजार रुपयांतच राम ऐताळान भितर घालून घेतिल्ली पळोवन तांका पिशें लागिल्ले भशेन जाल्लें. तांकां राम ऐताळ आपणालो व्हड दुस्मान सो दिसतालो. तांच्या वायंगण शेता कुडक्या भोंवतणचीं शेतां सगळीं आपणें घेतिल्लीं. जाय ते दीस हें चलत आयिल्लें. शेताचो निमाणो कुडकोय हातात आयलो. शेतांत भर घालपाच्या निमित्तान तांणी तीन वर्सांत आपणाली जमीन हातभर उबार केली. चवथ्या वर्सा थंय कवाथे रोवन मुंडकाराक एक खोंप बांदली. त्या वर्सा पावसाळयांत ऐताळांक भोंवतणी कोट बांदिल्ल्याचो अणभव आयलो. तांगेल्या शेतांत वचपाची वाटय बंद जाल्ली. पावसांत तांगेलें शेत एक तळेंच जालें. 'पळोवया, रामाक कशेंय कोर्टांत हाडटांच. ना जाल्यार तो म्हजे पांय धरपाक येवं दी" म्हूण शीनमय्या हट्टाक पेटिल्लो. आपणालें शेत रोवपाक जाय जाल्यार राम ऐताळांक कोर्टांत दावो करचोच पडलो. तांचो नाका-तुरो तो! "हायकोर्टांत जालें तरी पळोवनच सोडतलों" तांणी म्हळें. पूण आपणालो दुस्मान जाल्ल्या शीनमय्यागेर वचूं नाका म्हूण आपणें सांगिल्लें आसूनय लच्चा तांगेर वचत आसा म्हळळें मात ऐताळांक सोंसना जालें.

गीम सोंपून जून म्हयन्यांत शाळा सुरु जाली. लच्चा शाळेंत वचपाक भायर सरलो. देवा दयेन ह्या वर्साय लच्चा परीक्षेंत पास जाल्लो. "ताका शाळा नाका; गोटो खावन हांगाच पडूं" ऐताळांनी म्हळें. सत्यभामेन, "कितें पिशेपण हें! हांगा घरांतल्यांकय ताणें सुखान रावपाक दिवनयो अशें तुमका दिसता काय कितें?" म्हळें. सरसोतीन, "अण्णा, तागेल्या नशिबांत ब्रह्मदेवान बरयिल्ले भशेन जातलें; तुवें भरपाचो दंड तूं भर. देवाले इत्से प्रमाण जातलें" म्हळें. लच्चालें शिक्षण मुखार चालू जालें.

कसलीच अडचण नासतना लच्चण्णा शाळेक गेलो. ताजे फाटल्यानच ऐताळांक कुंदापुरांत वचून येत रावचें पडलें. आपणालें शेत पाड घालें म्हूण शीनमय्याचेर कोर्टांत

खटलो चल्लो. ताजे खातीर गांवांत तेन्नाच आयिल्ल्या घोड्यागाडे 'सर्विसा'क दुडु दिवन शीनमय्या कुंदापुराक वताले. ऐताळ मात चमकतच वचून येताले.

आतां लच्चा पांचवे यत्तेंत पाविल्लो. त्या उपरांत एकाच वर्सांत मेट्रीक. ह्या वर्सा ताका किट्टु उपाध्यायालें हॉटेल सोडल्यार दुसऱ्या हॉटेलांत वचपाचो वाव नाशिल्लो. पूण ह्या तीन वर्सांत तागेलें हॉटेल बरें चलतालें. ताणें एक व्हड घर भाड्यानय घेतिल्लें. तें माळयेचें घर जाल्ल्यान "ऐताळांनों, तुमच्या पुतान हांगा थंय भाड्यान रावचे परस आमगेले माळयेरच रावल्यार ताजेर लक्ष दव१५ाक म्हाका जातलें. तुमी थंय दितात त्या परस अर्द भाडें हांगा दिल्यार पुरो" म्हळें. राम ऐताळानी आज्ञाय दिली. "किट्टाले माळयेर आमचें ऑफीस" म्हूण लच्चानय सांगपाक सुरु केले. फाटल्यान तागेले पोरणे वांगडी आशिल्लेच.

किट्टाली खानावळ वाडली मात न्हय, किट्टा बायले वांगडा थंय रावपाक लागिल्ल्यान तवंश्या बियांचो सार जरी केलो तरी तो जिबेक बरो लागसारको जावपाक लागिल्लो. एक रुपय चड दितल्याक धंय, तूप बी मेळपाक लागलें. इतलेंच न्हय, "तुमी हांगा थंय, खंयचेखंयच्याय जातीच्यांगेर कॉफी, खाण खावचे परस, हांवच हॉटेलाची वेवस्था करतां' म्हूण आपणागेर येतल्यांक किट्टा सांगपाक लागलो. बेंगळुरा वचून आयिल्ल्या एका इश्टाक घेवन जेवणा वांगडाच ताणें एक कॉफी हॉटेल उगडलें. त्या काळांत कोट ब्राह्मणांक कोंकण्याल्या हॉटेलां कडसून राखिल्याचे म्हान धर्म कार्य किट्टाल्या वांट्याक आयलें.

सुमार एक वर्स मेरेन हें हॉटेल चल्लें. किट्टा लच्चाक एक आधार जाल्लो. पूण सगळो वेव्हार थंयच केल्यार बापायक देणें चड दिसून राग येतलो म्हळळे भिरांतेन,हेर कडेनय तो लिपून खावपाक वतालो. पूण ह्या वर्सा किट्टाक मात कांट्यावेल्यान चलिल्ल्याचो अणभव आयलो. राम ऐताळाक लच्चा विशीं कागाळ सांगल्यारय जायना, सांगना जाल्यारय जायना अशें तरेचें संकट ताका भोगचें पडलें.

किट्टालें हॉटेलच आतां लच्चण्णालें कार्यक्षेत्र जाल्लें. तागेलें वाचप बिचप तितलें म्हत्वाचें न्हय; फकाणां, खेळ, उलोवप होच अभ्यास जालो. अशें म्हळयार लच्चा अभ्यासच करनाशिल्लो अशें मात न्हय. ताजे बरोबरचो नरसिंव जावं, दोन वर्सांनी व्होड आशिल्लो जनार्दन जावं ताजे इतलेच वाचताले. हेर भुरग्यांभशेनन तोवूय बुदवंत आशिल्लो. पूण आतांशें ताजें मन शिक्षणा परस निन्निडपाकडेन चड लागिल्लें. वयाक अणसरुन तांगेलें उलोवप चल्यांचो वाठार हुपून शाळेत येवपी एक दोग चलयां भोंवतणी धुंवपाक लागिल्लें. वाटेर वतना तांचे कडेनच लक्ष वतालें. लच्चाल्या वांगड्यांत जन्ना पिरायेन व्हड जाल्ल्यान तो असल्यांत मुखार आशिल्लो. तांगेलीं उलोवपां अश्लील मस्कऱ्यांनीं भरतालीं. एक दोन पटी जन्नान ताका आपोवन "हांगा वचया; थंय वचया" म्हूण कोंबार काडपाचो यत्न केल्लो. पूण तो तितलो धीट न्हय. हे वटेन लजय दिसताली. जन्नान दिल्लें धैर्यय ताका उपकारलें ना. तोंडार तो जन्नाली बकच्छाय करतालो. पूण ताज्यांत आसा ती धिटाय आपणात ना म्हूण ताका मनांत दिसले बगर रावनाशिल्लें.

ताका तसो चड लागीचो नरसिंव. त्या दोगांत लिपोवपाचें अशें कांयच नासतालें. लच्चाल्या मनासारकें कितेंय जायना जाल्यार ताका तोच पावतालो. नरसिंवाक चुकनासतना कॉफी दीत रावल्यार तो खंयच्याय कामाक फाटीं रावनाशिल्लो. तांजो लाब लच्चान घेतलो. लच्चालो संदेश पावोवपाचें काम तो करपाक लागलो.

लद्याली नदर शाळेंत येवपी सोबीत संजीवीचेर पडली. तिणें वचपाचे वाटेर काम नासलें तरी हे भोंवपाक लागले. संजीवीनय हांकां कुस्कुटायलें ना. नरसिंवान हांचे मदीं खबरेकाराचें काम केलें. संजीवील्या घरांतलीं दिसपाक संसारीक. पूण गरिबीक लागून तांकां आडधंदो करचो पडटालो. ताका ला[illegible] एक दीस सांजे तिगेर लद्या पावलो. त्या दिसा नरसिंव भायर वाट पळोवन, पळोवन बेजारलो आनी होटेलांत परतलो. जेवणा वेळारय लद्या आयलो ना तें पळोवन किट्टा उपाध्याय रागार जालो. वेळ करून घरा पाविल्ल्या लद्यान "गणिता मास्तरान येवपाक सांगिल्लें म्हूण गेल्लों. हांव कितें करूं?" म्हळें आनी तागेल्या तोंडांतल्यान चुकोवन घेतलें.

मुखार दर दिसा जेवण सोंपल्या उपरांत नरसिंव आनी लद्या दोळे चुकोवन लिपून भोंवपाक लागले. हें पंगडांतल्या व्हडल्या जन्नाक कळपाक दिनासतना करपाक जाय आशिल्लें. तें खातीर एक उपाय सोदचोच पडलो. संजीवीलें घर जाल्या उपरांत तांगेल्या एका मास्तरालें घर आशिल्लें. थंय राती 'ट्युशनाक' वचपाचें निमित्त काडलें. चड त्रास घेवन पूत शिकपाक मास्तरागेर वता जाल्यार एक-दोन रुपय चड गेल्यार जायत अशें ऐताळांकय दिसलें.

पूण नव्यान आपणायिल्लें मजेखातीर लद्याक दुडू पावनात जाले. आजोळा फटी मारूनय उपयोग जायना जालो. एक पटी किट्टाल्या हॉटेलांतय लद्यान गोंदळ घालो. [illegible] आपणें गळयांतली सरपळी दवरिल्ली; परत वचून पळयली जाल्यार ती मेळ्ळीच [illegible] म्हूण हावळ उठयलो. सरपळेक लागून एक दोन म्हयने मेरेन तागेलो प्रणय बरो चल्लो. पुतान निश्काळजीपणान सरपळी होगडायली म्हूण ऐताळान गवजी घाली. आपणाल्या हॉटेलाक कलंक लागलो म्हूण किट्टान दोळयांत उदाक काडलें.

हालीं जन्ना माळ्यंर एकटोच उरतालो, जाल्यार लद्या आनी नरसिंव ट्युशना निमतान मास्तरागेर वचून येताले. वांगडा ते प्रणयाचें शिक्षण घेवनय माळयेर पावताले. हें सदचेंच जालें.

सदां हे वेळ करून येतात तें सोंसना जावन एक दीस जन्ना तांचे फाटल्यान लिपून गेलो. निमाणें तांगेली चोरी धरली म्हूण ताका खोस जाली. ताणें तांकां हिणसायलेय बी. त्या दिसा साकून तिगांनीय एकामेकाची मर्याद वचपाक दिवची न्हय म्हूण थारायलें. पूण तांकां लागपी दुडवाचो मान कोणे राखप? लद्याली दुकानांत बाकी, हॉटेलांत बाकी, शाळेंतली फी बाकी अशें जाल्ल्यान रीणकारांची कागाळी खानावळी मेरेन पावन उपरांत ऐताळा मेरेन पावली. निमाणें पुताल्या हातांत एक दुडूय दिनासतना तागेल्या मास्तराल्या हातांतच पैशे दिवन मेकळें जावचें म्हूण ऐताळान थारायलें. ते वटेन आजोळव्यांनी ताका दुडू दिवचेच न्हय म्हूण कळयलें.

लद्याल्या दोळया दुकांचोय कांय उपयोग जालो ना. दिसानदीस ताका संजीवीकडसून आपोवणें येवपाक लागलें. पूण दुडू नासतना फुको प्रणय मेळटा? जाळयेत घुसपल्ले हरणें भशेन ताजें मन भांबावलें. निमाणें एक दीस ताणें "हांवें दिल्ले सगळे दुडू दी" म्हूण नरसिंवालीच फाट धरली. "तुका दिवपाक कोणें सांगिल्लें?" म्हूण नरसिंवान परतेंच विचारलें. हाका लागून दोगांयचें बरेपण ना जालें आनी त्या हॉटेलांत जन्नू आनी किट्टा हे दोगूच उरलें.

त्या वर्सा ऐताळागेर एक अजापाची गजाल घडली. तांगेर कुरकुटांत दवरिल्ल्या खजानांतल्यान वीस-तीस रुपया ना जाल्ले. ऐताळ चिंतेंत पडलें. सत्यभामेक विचारलें. "कालं तुमी घरांत नाशिल्ले न्हय, त्या वेळार लच्चा आयिल्लो; सकाळीं येवन सांजेर आज्यागेर गेलो" म्हूण तिणें म्हळें. ऐताळांक पुताचेरच संशय आयलो. ताका विचारप केन्ना? परतो मेळटलो तेन्ना. एका म्हयन्या उपरांत तसो मेळिल्ल्या वेळार "देवाच्यान तर, काडले नात" म्हूण जाप दिवन तो ओगी रावलो.

ऐताळांक पुताचेर भरवंसो ना जालो. आपणें आडव्यो उब्यो आड्यो मारून केल्लो हिशोबच चुकलो काय म्हूणय ताका दिसपाक लागलें. कारण आपणाल्या खजान्याचो जागो कोणाकच कळपाचो साध्य ना म्हूण तांकां भरवंसो आशिल्लो.

दुडू ना म्हळ्ळया निमित्तान मास्तरागेर वचपाचें लच्चान तटाच करून बंद केलें. राती भोंवपाचें सोडून संभावीत जालो. तशें जाल्ल्याचें खरें कारण दुडू नात हें आशिल्लें. त्या उपरांत लच्चा घरा पाविल्ल्या वेळार ऐताळांनी आपणाल्या खजान्याचो जागो बदलिल्लो.

लच्चा निर्शेल्ल्या वेळार जन्नू ताका मार्गदर्शन करपाक लागलो. जन्नूक आपणापरस चड पैशे मेळनात हें तो जाणा आशिल्लो. पूण तागेल्या उलोवण्यावेल्यान तो आपणापरस चड लंपट म्हूण तो जाणा आशिल्लो. पूण 'तुंगेल्यो इश्टिणी कोण?' म्हूण तोंड उगडून ताणें जन्नूक विचारलें नाशिल्लें. ती गजाल जाणा जावपाची ताका उमळशीक आशिल्ली. जन्नूलो थाव घेवपाचो प्रसंग आतां लच्चाचेर आयलो. खानावळकान्नी कडेन तागेली इश्टागत आसत म्हळ्ळो अदमास दीस वतां वतां घट जावपाक लागलो. तिजो घोव आपणाल्या कॉफी हॉटेलांत घुसपल्ल्या वेळार, जन्नू आपणाक तकली उसळटा म्हूण वो हेर निमित्त सांगून दनपारचो योग्य वेळ पळोवन घरा येतालो आनी तिच्या वांगडा प्रणय सादतालो. एक दिसा लच्चान आपणाल्या इश्टाकडेन ल्हवूच "जन्नू, आसल्यार तुजें असलेच इश्ट आसपाक जाय. तुका इतले पटी कॉफी दिवनय तुजें गूट तुवें तुगेलेच मुठींत धांपला" म्हळें. "म्हजें गूट कितें?..." म्हूण ताणें प्रस्न केलो. लच्चान हांसत "म्हाका कळ्ळां तें" म्हळें. "कितें?" म्हळ्याक 'ज... ल... जा" म्हूण एकेक अक्षर लच्चान उच्चारलें. जन्नूलें तोंड देंवलें. "हय तें" म्हूण जन्नूक कबलात दिवचीच पडली. "जलजा" हें किट्टाल्ल्या बायलेचें नांव.

आनी कितें जाय? लच्चाल्या मनांत तेंच धुंवपाक लागलें. यजमान्न न्हाणयेंत आसतना धा पंद्रा पटी चुकून भितर पाविल्ल्या वेळार तिजे कडेन सूत जुळोवपाची इत्सा जाल्ल्या ह्या बहादूराक आतां धिटाय आयली. तिणें थंय न्हावपा वचपा पयलीं आपणें वचप; येतना चार आठ आणे थंय दवरून येवप, ते हाडपा निमतान परत वचून, ते दिसना जातकच "तुमकां मेळ्ळां? हरकत ना... आसूं दी" म्हणप. ही सदचीच संवय जाली. शिवाय तिगेल्या रांदपाविशीं "हालीं तर जलजम्मालें रांदप म्हळयार नळान रांदिल्ले भशेन" म्हूण तिजी तोखणाय करपाक लागलो. अशे कांय दीस चल्लें. ताज्या आधाराक, ताणें केल्ले तोखणायेक पूट दिवपाक जन्नू वांगडा आसतालोच. अशे तरेन लच्चा येदेच पिरायेचें तें बायलेचें मन ताजे कडेनय व्हांवलें.

तें वर्स सोंपून लच्चान मेट्रीकेंत पांय दवरलो. जन्नू नापास जाल्ल्यान ताज्या वांगडा पावलो. हे फावटींय ऐताळान लच्चालें मनार घेतलें ना. किट्टालें हॉटेल सामकेंच बसलें. कॉफी हॉटेलाची भागीदारी समा चलना जावन तें ताणें बंद करचें पडलें. अशे जाल्ल्यान

दीसभर खानावळींतच तो रावपाक लागलो. जलजम्मालें अर्द यजमानपण आतां तागेल्या हातांत आयलें. ती फकत रांदचे कुडीचीच यजमान उरली. हे नवे घडणुकेक लागून लद्या आनी जन्नूलें गजेक अडचण जावपाक लागली. हे घटकेक आठ आठ पटी "उदाक पिवपा" निमतान हे रांदचे कुडींत वता-येताले आनी तांचे मुखार जलजम्मा हांसत रावताली तें किट्टाक लक्षांत आयलें. हांगा सावन संशय, मत्सर उप्रासलो आनी तो येद्या येद्या कारणाक लागून बायलेक कचकचावपाक आनी मारपाक लागलो. घोव बायलेचें मन विटत गेलें. जलजाक्षिलें मन मोडलें आनी तिणें भितल्ले भितर कारस्थान करपाक सुरवात केली.

किट्टु उपाध्यायाक उभय संकट जातालें. जलजाक्षीली वागणूक ताका सहन जायना जाली. ती बंद करपाक जाय जाल्यार लद्याक आनी जन्नूक धांवंडावपाक जाय. राम ऐताळ हॉटेलांत आयिल्ल्या वेळार "म्हारायांनों, तुमचो चलो म्हजें कांयच आयकना. तागेलो दरबार, ताजें उलोवणें, ताणें येवपाचो वेळ म्हाका जमना. ताका लागून हांगा येवपी भुरगींय पाड जावपाक लागल्यांत" म्हूण कागाळी सांगली. पूण अमकेंच कारण म्हूण तोंड उगडून सांगप जमलें ना. ऐताळान "म्हाराया, तुजे कडेन तो असो तरी आसा. दुसऱ्या खंयच्याय हॉटेलांत आसल्यार आनिकूय वायट जाता आशिल्लो. ह्या वर्सा मेट्रीक जाल्यार पुरो जालें तागेलें शिक्षण" म्हळें.

किट्टा उभय संकटांत शिरकलो. जेवणा पैश्याची बाकी म्हूण जन्नाक धांवडायलो. तो गेल्यार हो ओगी पडटलो म्हूण आपलो राग ताणें दामून दवरलो. जन्नू गेल्यान जलजाक्षि चडच संतापली. घोवाक कश्याकशी उलोवपाक लागली. लग्न जाल्ल्या दुसऱ्या वर्सांतच आपणें बायलेक शारांत हाडून आपणालोच घोळ करून घेतलो म्हूण किट्टाक वायट दिसलें. आठ पंदरा दीस बायले कडेन उलोवचें सोडप, परतें एक जावप हें ताजे सदचेंच जावन बसलें.

किट्टाक कितें मन ना? जलजा कडसून मेळपी हकाचो मोग ना जाल्लो पळोवन, ताज्यांतल्या कामविकारान रूड घेवपाचें थारायलें. बायलेचेर रागार जाल्यार हॉटेल बंद करून आपणें परत रांदपाचें काम करचें पडटलें. ही खबर बापायक कळयल्यार आनीक परतें लग्न जावचें पडटलें. कशेंय जालें तरी हॉटेल धंदो बंद करची पाळी येतली अशें ताका दिसलें. ते खातीर आसा तातूंतच समाधान मेळोवपाचें थारावन ताणें आपणाल्या मनाकय वांकडे वाटेन व्हांवपाक मेकळीक करून दिली.

लद्यालें मेट्रिकेचें शिक्षण सावकासायेन चलतालें. तरी पूण त्या वर्साचे दीस बेगीन कशें सरलें तें मात सांगपाक जावचें ना.

○

15

दर वर्सा ही पाडपडिल्ली रजा कित्याक येता म्हूण लच्चण्ण विचार करत आसतनाच ती रजा आयलीच. मेट्रिक परीक्षा सोंपिल्ल्यान रजा एप्रिलाचे सुरवातेक आयली आनी ताका कोडींत येवचें पडलें. "हो पाडपडिल्लो वनवास केन्ना सोंपतलो काय!" म्हूण ताका विचार पडलो. कोडी नाका म्हूण पडुमुन्नूराक गेल्यार थंयय सूख ना. थंय आज्याली पिराय तांची कूड सोंपयत आशिल्ली. दीस, घटका, पळ मेजपी तांचे विशीं ताका कांयच दिसनाशिल्लें. अशें आसतनाय तो ह्यो दोनूय आवड नाशिल्ल्या गांवा मदीं येरादारी काडटालो. मदें चोरया कुंदापुराकय वतालो, हॉटेलाचें दर्शन घेवपाक. शाळेंक आनी कोर्टांक रजा पडिल्ल्यान किट्टु उपाध्याय आपणालें हॉटेल बंद दवरून घरा आयलो. आपणाल्या घरा शेजाराकच जलजम्मा रावपाक आयल्या म्हूण कळिल्ल्यान लच्चाक घे म्हूण खोस जाली. ना तें निमित्त काडून तो सुब्राय उपाध्यायागेर गेलो आनी आपूण गांवांतच आसा म्हूण जलजम्माक कळपा खातीर तोंड दाखोवन आयलो.

"पुताक ह्या वर्सा तरी लग्न करतलो काय ना?" म्हूण सरसोती भावा फाटल्यान लागिल्ल्या वेळारच सुब्राय उपाध्यायाले बायलेन सरसोतील्या कानांत कसली तरी कागाळ सांगली. सरसोतीक नाका जाल्ली भिरांत दिसली. एक दिसा गोरवां राखपाक ती गेल्ल्या वेळार लच्चा काजुझाडा मुळांत चोराभशेन भोंवता तो दिसलो. लच्च थंय कित्याक रावला म्हूण लिपत ती ते वटेन गेली. कोणतरी थंयसून गेल्ल्या भशेन तिका भास जालो. ते वटेन सुब्राय उपाध्यायालें घर आसा. तशी गेल्ली ती जलजाक्षीच उरपाक जाय म्हूण सरसोतीक दुबाव मारलो.

तिजें आंग जोर आयिल्ले भशेंन तापलें. थंय एकूय उतर काडिनासतना 'शिव शिवा!' म्हणत ती घरा आयली. "तिका ही खबर कळळी आसतली" म्हूण लच्चाक संशय आयलो काय ना कोण जाणा! पूण भायल्यान ताणें कांयच घडले नाशिल्ले भशेन दाखयलें. त्या दिसा ऐताळान आपणालीं पुजेचीं कामा सोंपोवन घरा पाव मेरेन रातची एक घटका जाल्ली. पांय धुवपाक तळ्या कडेन आयिल्ल्या वेळारच सरसोती देणप्या कडेन येवन ताजी वाट पळयत रावली. "कित्याक रावल्या?" म्हूण भावान विचारचे पयलीच तिज्या दोळयांत दुकां व्हांवलीं. आपणें आयकल्लें आनी पळयिल्लें तिणें तांकां सांगलें. दोन वर्सांथावन लच्चालें तोंड उतरिल्लें आसा आनी ताजी नदर पळयल्यार तो कितें तरी विचार करत आसा अशें दिसताले म्हूणय तिणें सांगलें. "कितेंय जावं, ताका एक बुदवंतकायेचें उतर सांग. आयकल्यार आयकतलो, ना जाल्यार ना. पूण ताजें एक लग्न कर आनी उडय. म्हजें उतर आयकनासतना तेन्नाच लग्न करनासतना राविल्ल्यान हें अशें जालें." म्हूणय तिणें म्हळें.

ऐताळान घरा येवन आपणालो जप सोंपयलो. तो वेळ मेरेन तोंड उगडलें ना. उपरांत "लच्चा" म्हूण आपयलें. लच्चा आड पडिल्लो. पूण न्हीद आयली नाशिल्ली. दुसरो उलो

आयलो. 'ह्या घरांत न्हिदेकय गत ना' म्हणत उठून आयलो. "किट्टु उपाध्यायाली अब्रू काडली म्हूण तागेल्या बापायन सांगलें तरी म्हाका खरें दिसलें ना. आतां सगळें म्हाका कळ्ळें. तुवं अशें सगळें करचे परस आपणाक 'लग्न कर' म्हणचें आशिल्लें न्हय? जलजम्मा आनी तुगेले संबंद गांवभर कळ्ळयार तुजी अब्रू कितें उरत? तुका जल्मा घाल्ल्यांची किंमत कितें जातली?" म्हूण ऐताळान गवजी घाली. लच्चण्णान तोंड ल्हान केलें. पूण रागानच "कोणेंतरी सांगिल्लें आयकून तुमी ही अन्यायाचीं उतरां उलयतात?" म्हळें. "कितें? आज सांजे तुमकां दोगांक सरसोतीन एकठांय पळयलें, तें फट?" म्हूण ऐताळान रागान विचारलें. लच्चा मातूय हाल्लो ना. "दिसाचे दोळे दिसल्यारच न्हय, तिका तिळसांजचे दिसप?" म्हळें.

ऐताळांचो हात वयर गेलो. पूण मारपाची ताकत नाशिल्ली. लच्चाक तो बरो वळखतालो. ही वखद नाशिल्ली पिडा म्हूण तांकांय खबर आशिलें. तांणी एकच सांगलें. "तूं असोच वागतलो जाल्यार म्हज्या घरांत रावं नाका. तुजे म्हजे रुणानुबंद सोंपले. हांव तुजो बापूय न्हय, तूं म्हजो पूत न्हय... म्हजो पैसो-आडको, म्हजो जीव झरोवन तुजे खातीर दवरिल्लें जें जें कितें आसा तें सगळें सुब्बीक मेळटलें शिवाय तुका न्हय... 'म्हजी चूक जाली, आत्याक तशें म्हळ्ळें चुकलें' म्हूण तुवें म्हणमेरेन ह्या घरांत तुका शितागोटोय मेळपाचो ना" म्हणून आपूण रागार जावन वचून न्हिदले. सत्यभामेक तांचे कडसून सगळी खबर कळ्ळी तशें तिणें "म्हजो पूत असो जायत म्हूण केलो ना" म्हळें. लच्चण्णा थंयच खांब कसो उबो आशिल्लो. बरोच वेळ उबो रावन, पुरो जालें तशें घरा फाटल्या आवारांत वचून बसलो. मळबांतलीं नखेत्रां सगळीं मेजलीं. सुक्र उदेलो; सकाळ जाली. तरी पूण मान बागोवप म्हळयार लज, अभिमान आड येतालो. बापायन घरांतल्यान भायर घाल्यार आपणाक दुसरी वाट ना हेंय तो जाणा आशिल्लो. दुसऱ्या दिसा सगळो दीस ताणें उंडी झाडापोंदा बसून काडलो.

पारोतीकय लच्चाली करणी कळ्ळी. पुताची वायट वागणूक पळोवन तिज्या काळजांत उजो पेटलो. पूण ताका भायर घाल्यार तो परतून हाताक लागचो ना हेंय ती जाणा जाल्ली. आतां ती म्हातारी; सामकीच वांकल्या. सरसोतीं परस पिरायेन ल्हान आसूनय धांवपळ करपाची तिज्यांत तांक ना. तरी ताका सोदपाक समुद्रा वेळ, आवारो, शेतां, भाट अशें करत हांगा थंय भोंवली. दनपारचें तिका जेवण चल्लें ना. "सरसोती, तूं तरी ताका चार उतरां सांग" म्हूण तिणें म्हळें. घोव वचपाचो ना हें ती जाणा आशिल्ली. सरसोतीन "पारोती, तुका पिशें? एक पटी तरी ओडून धल्ले बगर तो सुदारपाचो ना. भूक लागल्यार घरा येतलो" म्हळें. जालें, पारोतीचेर उपास काडपाचो वेळ आयलो. सांजे परतून ती पुताक सोदपाक गेली. उंडी झाडां पोंदांनी पळयलें तेन्ना झाडाच्या सकयले खांदयेर ल्हान तोंड करून लच्चा बशिल्लो. "पुता, म्हजें उतर आयक; घरा यो" म्हळें. लच्चा सकयल देंवलो: उलयलो ना. "पुता, घरा यो" म्हळें. "ते घरांत घेवचे नात" लच्चान म्हळें. "चूक केल्ल्यान 'चूक जाली आनी करना' म्हणचें नाका तर?" म्हण तिणें म्हळें. लच्चा घोऽऽ करून रडलो! तेन्ना पारोतीचें काळीज कळवळ्ळें. ल्हान आसतना "व्होडाम्मा" म्हूण आपणाक सतावपी भुरग्याचे खेळ तिज्या दोळ्यां सामखार परतून आयले. "लच्चा, मनशाक अब्रू परस आनी कितें व्हड आसा?" तिणें विचारलें.

“ना.”

“सरसोती कडेन चूक मागपांत अडचण कसली?”

“मागतां. पूण बाप्पा सामखार मात वचना” ताणें म्हळें.

“तूं ओगी रावल्यार ते रोखडेच थंड जातले. ते कितें फातर तर? पुता हातान सद्गत मेळची म्हूण दुसरें लग्न जाल्ल्या बापायक तूं दुस्मान कसो जायत?” म्हळें.

पारोतीन धांवत वचून सरसोतीक आपोवन हाडली. लह्यान लजेन “चूक म्हजी” म्हळें.

“तुवें आनी परत तशें करना जाल्यार जालें. केल्लें कोणाच्यानय पुसून काडपाक जायना न्हय?”

“जायत.”

“देवान इच्छा केल्यार तुका योग्य असली बायल घरांत हाडपाक लायतां.”

“बरें.”

“पळय पुता, शीनमय्याल्या चोरडांनी बोगोण्यान आनी पंचांड्यान पैशे हाडून बापायक नांव मेळोवन दिलें जाल्यार ‘कोडी ऐताळ’ म्हूण म्हणून घेवप्यांचें आशिल्लें नांव तुवें अशे तरेन व्होगडावप?” म्हूण ताका सरसोतीन चार उतरां सांगलीं.

झडमोडो येवन पावसय पडिल्ल्यान तटाच्च करून सगळें शांत जाल्ले भशेन घरांत आयिल्लो हुंवार थंड जालो. राम ऐताळांक पुता कडेन उलोवपाचें जरी दिसलें ना तरी राग वचून “जालें तें जालें आतां एक बरी चली पळोवन लग्न करतां. तिगेल्या पांयगुणाक लागून तरी हो बरो जावंदी” म्हूण दुसऱ्या दिसासाकून ते जातकां हाडपाक लागले. तांणी भायर सरपा वेळारच सरसोतीन “आतां कालचीं भुरगीं! आपणेंच चलयेक पळोवपाक जाय म्हूण म्हणत तुजो लह्या. हात, पांय, दोळयान बरी आशिल्ली गोरी चलीच पळय. फाल्यां आनी तेंच जावपाचें नाका” म्हळें. ऐताळान ‘जायत’ म्हळें.

सात दीस वतांत ते भोंवले. जाणा जाल्ले कडसून बरींच जातकां हाडलीं. ऐताळांच्यो दोन अटी आसताल्यो; जातक जुळपाक जाय, लह्यानय जायत म्हणपाक जाय. हांगचे भशेन पडुमुन्नुरांतय व्हंकल सोदपाक लागले. ऐताळांक पुताल्या फुडाराचोय विचार करपाक जाय आशिल्लो. मेट्रीक सोंपले नंतर कितें करप? कुंदापुरांत खंय तरी कारकून जावप? मुखार कितें तरी करपाकच जाय म्हूण तांणी थारायलें. ताणें मुखार शिकचें अशें सरसोतीक दिसनाशिल्लें. “हें सगळें घरदार तुजे फाटल्यान कितें करप? तुजें भटपण तुजे फाटल्यान सोंपोवप? हें सगळें हांगाच सोंपयतलो?” म्हूण तिणें शिटकावणी दिवन विचारलें.

“हांवें खंयचो खंयचो विचार करचो... सांग? हो लह्या घरचें शेतभाट पळयतलो अशें तुका दिसता? ताणें हें तीन पावण्याक विकनासतना राखून दवरल्यारच उपकार म्हणचो पडटलो” म्हूण राम ऐताळान म्हळें. पूत इंग्लीश शिकून नांवाक पावतलो म्हळ्ळो तांचो हावेस केन्नाच ना जाल्लो. तरी पूण मेट्रीकारच सोंपचे न्हय अशेंय तांका दिसतालें. हो विचार करता आसतनाच ऐरोडीचो वकील वासुदेवय्य आपणाल्या गांवांत आयला म्हळ्ळी खबर ऐताळांक कळ्ळी. त्या वकीलालें घराणें तांगेल्याच पुरोहीतपणाखाल आशिल्लें. कोडीसाकून नीट वचून उदेंते दिकान आशिल्लो व्हाळ सोंपतकच लागपी गांवच ऐरोडी. थंयच्या उत्तरे दिकावेल्या आवारार रावल्यार सामखारच्या माडा भाटांतल्यान नदरेक पडटा तें नळयाचें घर वकिलाचें आशिल्लें. मे सुटयेतच वकील वासुदेवय्या घरा पावता. उरिल्ल्या

वेळार ते मंगळुरांत वकिली करतात. घर तांचो धाकलो भाव पळयता. खावन जेवन बरे आसात. केन्नाय गरज पडल्यार त्या वकिला कडेन सल्लो घेवपाची गांवांत चलत आयिल्ली पद्दत. मंगळूरचो वकील म्हणटकच तांचें वजन चड. राम ऐताळ "हरी, हरी" म्हणत तांगेर गेले. राम ऐताळाविशीं वकिलांकय आपलेपण आशिल्लें. तांकां पळोवन शेंदरी तांणी पातळायली; आदर सत्कारय केलो.

"म्हगेल्या पुताचें मेट्रीक जालां; म्हळयार ताणें परीक्षा दिल्या, पास जातलो म्हणटा. पुतान मुखार कितें करचें म्हळळो विचार. गांवांतच दवरून कितें करप सांगा? कितें करचें तें तुमकांच विचारया म्हूण आयलो." म्हळें.

राम ऐताळांचें बरें चलता हे जाणा जाल्ल्यान वकिलान "बी. ए. कित्याक करचें न्हय? ना जाल्यार डॉक्टरकीक वो हेर कित्याकय धाडपाक जाता न्हय?" म्हळें.

"डॉक्टरकीक!" म्हूण ऐताळांनी अजापान म्हळें.

"हां, भटपण करपी तुमी, मडीं कापपाक जायना व्हय?"

"हय तर. तुमी म्हजी मस्करी बरी केली. जावं, तें एक सोडून हेर कितेंय सांगात."

वकिलान "आमच्या वेळार मेट्रीक शिकल्यारय सान-व्हड वकालत करपाक जातालें. आतां बि. ए., बि. एल्. जावपाक जाय. सगळया परस आदीं दोन वर्सां शिकून एफ्. ए. पास जावपाक जाय. त्या उपरांत मुखावेलो विचार केल्यार बरो न्हय?" म्हळें.

"अशें तर?"

"हय, पूण कितेंय करचे आसलें तरी तुमचो पूत कितें म्हणटा ते पळोवपाक जाय न्हय?"

"ताका कितें विचारप? ताका तितली बुद्द आसा तर?"

"बुद्द आसत वो नासत; पूण शिकपी बापूय न्हय, पूत मूं?"

"तेय खरें."

"ताका आपोवन घेवन येयात. तुमगेलो पूत इंग्लीश वाचता न्हय? पळोवया, तागेलें इंग्लीश शारांतलें काय गांवचे तें" म्हळें. ऐताळांक ते पटलें. त्या दनपारां थंय जेवन ते घरा आयले.

ते गेल्या उपरांत वकील वासुदेवय्याल्या धाकल्या भावान, नारायणय्यान, "अण्णा, तुवें धुवे खातीर हांगा-थंय न्हवरो सोदचे परस, जातक पडटा जाल्यार ह्या चल्याकच पळयल्यार जायना? ऐताळ आपूण जावन हें उलोवपाचे नात. 'व्हड लोक आपणा असल्यागेर चली दिवचे नात' म्हूण ते समजतले. आमगेले ऐताळ तशें बाबत कूळ न्हयत. हालीं कोडींतलें-खंयचेंय भाट एक तर शीनमय्याक घाणाक वो हांकां घाणाक आसता.' म्हळें.

"इतले घट आसात तर ऐताळ?"

"आमगेल्या गांवांतच ते शंभर रुपया परस चड तिर्वो भरतात. थंय कोडींत दोनशीं रुपय तरी भरतात आसतले. शिवाय वयर आठ धा हजार रुपया रोख आसतलेच. तांगेलो बापूय आसतनाच तितले रोख दुडू आशिल्ले म्हूण कांय जाण उलयतात. ऐताळान न्हेसपी परकाळयावेल्यान तांचें मोल करचें न्हय."

आपणाले चलयेचें जातक तांगेल्या चल्याल्या जातकाक पडल्यार एक व्हड प्रस्न सुट्टलो अशें वकिलांकय दिसलें. तांकां चार चले; दोग चलयो. व्हडली चली लग्नाची जाल्या.

नागवेणी तिजें नांव. नागवेणीक आतां इकरा सोंपून बारावें लागलां. आतां न्हय तर आनी केन्ना तिजें लग्न करप म्हळ्ळो बापायक विचार लागिल्लो. ते मंगळूरांत वचून राविल्ले जरी आसले तरी सोयरिके खातीर गांवचें तोंडच पळोवपाक जाय आशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा आपणाल्या उतरा प्रमाण दीस उजवाडिल्ले एके घटके भितर ऐताळ वकिलागेर आयले. तांच्या वांगडा, केंस वळोवन, आंबाडो बांदून, धवें आंगाक घालून लच्चाय आयिल्लो. धगाचे दीस आसूनय कोट आनी पैरण ताणें आंगार चडयिल्ले. हातांत 'वॉटर प्रूफ' सातें आशिल्लें.

वकिला घरच्या मुखावेल्या दारा सामखार आशिल्ल्या माटवांत पावता म्हणसर नारायणय्या मुखार आयले. "बापूय, पूत मेळून आयले? या, आमगेलो अण्णा नवें भाट पळोवपाक गेला. थंय ह्या वर्सा शंभरेक माडा कवाथे घाल्ले. ते पळोवन येतलो" म्हळें. "अशें... जायत. म्हाकाय आज स्राद्ध, शांती बी कांयच ना. ते यो मेरेन हांगाव बसून रावतां" ऐताळान म्हळें. ते उलयत आसतनाच घरांतल्यान हांसत उलयत तीन-चार भुरगीं भायर आयलीं. आंबाडो बांदून, काळो घागरो न्हेशिल्लें नागवेणी आपणाल्या भाव भयणीं वांगडा आशिल्लें. नागवेणी पिरायेन ल्हान, पूण आंगान घसघशीत वाडिल्लें चली. शाळेक वताले. कसलो तरी खेळ खेळत बोवाळांत थंय आयिल्लें पळोवन तांकां तांच्या बापोलयान "ह्यात्, भितर चलात. थंचे आंगण नुपुरो जावन हांगा आनी आयलीं!" म्हूण गवजी घाली. भुरगीं आवाज काडिनासतना भितर गेलीं.

"तीं म्हज्या भावालीं चोरडां. सुटयेंत घरा आयल्यार घर सगळें मात्यार घेतात" म्हळें.

"ती चली तुमचीच काय कितें?" ऐताळान विचारलें.

"म्हजी चली आठच वर्सांची न्हय? ही तिजे परस व्हड, म्हज्या अण्णाली चली, नागवेणी. तिका पळयिल्लें तुमकां याद नासत. दोन वर्सानी जांव, तीन वर्सानी गांवांत येतात न्हय?" नारायणय्यान म्हळें.

लच्चण्णाली नदर ते चलयेकडेन गेली. बापायन मुखाल्ल्या शिक्षणाचो विचार करपाक आपोवन हाडला म्हूण समजल्ल्या ताका उलोवणें आयकतना वेगळोच विचार आयलो. हो वेळ मेरेन बाविल्लें ताजें तोंड खोशयेन फुल्लें. नारायणय्यान तांका घरांत चौकेर बसोवन "ऐताळानूं तानेक कितें हाडूं? कॉफी? मुगां कण्ण? काय शिंयाळयाचें उदाक?" म्हूण विचारलें. "नाका सायबा! म्हाका कॉफी नाका. तें सगलें आतां कालच्या लोकांक जाय. आमकां फाटल्या काळांतल्या लोकांक तें पिल्यार गरम जाता. म्हाका कांयच नाका" म्हळें.

"तशें म्हळयार जायत? अशें करतां, तुमकां मुगा कण्ण आनी चल्याक कॉफी बरी जातली. तेंच करया" म्हणत ते भितर गेले.

बापूय आनी पूत भायर सोयरे कशे बसले. बापायन पुताचें तोंड पळयलें ना; पुतान बापायचें तोंड पळयलें ना. तें अशें तप करत ओगी बशिल्ले आसतना भाट पळोवपाक गेल्ले वकील परत आयले. आयिल्लेच "ऐताळांनूं, हेच काय तुमचे चिरंजीव? हो कुंदापुरांत शिकता? काय उडुपींत?" म्हूण विचारलें.

थोड्या वेळान भितरल्यान कॉफी, मुगां कण्ण आनी तेलात तळिल्ले पापड आयले. तांच्या वांगडा वकीलय बसले. "पळयलें ऐताळांनूं, फाटलो काळ सोंपलो म्हणपाक तुमचो पूतच साक्षी. ताणें कॉफी पिवपाक सुरवात केली. म्हाका तर सदां कॉफी पिल्या बगर

जायना'' म्हळें. ऐताळान ह्या उतराक ''तुमी वकील; तुमी कॉफी पिवप समा आसा. शारांतले हवेक कॉफी लागता जायत. पूण आमच्या सारख्या गांवांतल्या बोंडेरांक ती कित्याक जाय? ते बेंगळुरचें वारे व्हांवन शीनमय्य सारक्या म्हाताऱ्यानय कॉफी पिवप म्हळयार बरें दिसता काय सांगा?'' म्हळें. अशें तरेन थंय शीनमय्याली खबर सुरु जाली. तांगेल्या चोरड्यांली खबर आयली. तांचे भशेन हॉटेल घालून दुडू मेळयिल्ल्या हेर चार जाणांची खबरय आयली. ''अशील कोणय येत काय म्हूण चार जाणांगेली वाट पळयत बसपाची ही वकिली करचे परस तोच धंदो बरो'' म्हूण वकिलान म्हळें.

''तें खरें. आमगेलो सुब्राय उपाध्याय ह्या वर्सा नळे घालता खंय पळयात आपणाल्या घरार. ताजें तर खोपटा भशेन एक हॉटेल आसा, कुंदापुरांत.'' ऐताळान म्हळें. ''आतां कोटांगेले हॉटेलय जालें कुंदापुरांत!'' आपणाले जाती विशींचो अभिमान वकिलांत दिसलो.

तांकां दोगांकय दनपारचें जेवणाक रावपाचें सांगणें दिलें. ऐताळान ''कितें करचें तें वकिलांनी सांगलें ना?'' म्हूण उत्सुकतायेन विचारलें. मुखाल्लें थारावपाक जाय जाल्यार पुताकडेन विचारपाक जाय. पूण कितेंय विचारलें जाल्यार पूत तोंड उगडना जालो. बापाय मुखार तो उलोवपाक गणमणता जायत अशें वकिलाक दिसलें. तांणी ताजे कडेन बापायक कळनाशिल्ले भाशेंत उलोवपाक सुरवात केली. ''यु आर इन द मॅट्रीक्युलेशन क्लास?'' म्हूण विचारतकच 'यस' म्हूण जाप आयली. त्या उपरांत उलोवणें सगळें इंग्लीशींत जालें. इतलेंच कित्याक, जेवपाक बशिल्ल्या वेळारय तो वकिला कडेन 'एस् फेस' उलयलो खंय. लग्नाक एक आडखळ जाताली. जेवणा पंगतीच्या निमण्या टोंकाक तागेलेच पिरायेचो वकिलालो व्हडलो पूत सदाशिव जो बशिल्लो, ताजे कडेन ताका उलोवचें साध्य जायनाशिल्लें. आयिल्ल्या वेळार झळकून ना जाल्ले त्या चलयेक पळोवपाचेंय साधनाशिल्लें. कारण वकील ताका प्रस्नाचेर प्रस्न विचारत आशिल्ले.

जेवन जातकच तो तांचे कडसून जरा आड गेलो. त्याच वेळार घरांत आयिल्ल्या इंग्लीश बंटाकडेन उलोवपाची उत्सुकताय आशिल्लो सदाशिव थंय पावलो. ते दोगूय उलयत घराचे माळेर चडले. हेवटेन ऐताळा वांगडा वकील उलयत बसले. ''चलो हुशार आसा. ताका इंग्लीश बरें येता. पास जाल्यार ताका एफ. वाय. क घालात'' म्हळें. ऐताळान खर्च कितलो येत म्हूण विचारलें. ''थंय रावप खंय? हॉटेलांत, काय आनी खंय?'' म्हूणय विचारलें. ''ताका धाडपा वेळार ताजो विचार केल्यार जायना? तीसेक रुपय दिवपाची तुमची तांक ना तर?'' म्हूण वकिलान विचारलें. आपूण गरीब म्हूण दाखोवपाचो यत्न ऐताळान केलो ना.

उलयतां, उलयतां ''ऐताळांनूं तुमगेल्या पुतालें जातक मात धाडून दियात पळोवया. जाय जाल्यार आमगेले नागवेणीलें जातक तुमी घेवन वचात'' म्हूण वकिलान म्हळें. ऐताळांचें तोंडच उगडलें ना. ''कितें? कांय उलयनात कित्याक?'' म्हूण वकिलान परत विचारलें नंतर ''तशें न्हय हो, तुमचे सारक्यांक असलो भटालो चलो?'' म्हळें. ''तें सगळें फाटल्या काळांतळें जालें. आतां इंग्लीश कळटा जाल्यार जालें. हेर सगळें कोण विचारता? ह्या तुमगेल्या चल्याक आमगेले चलयेचें जातक पडल्यार लग्न जावचें न्हय म्हूण आसा?'' म्हळें. ऐताळान खोस दाखयली.

सांज जाली. ''पूत खंय?'' म्हूण ऐताळान चवकशी केली. सदाशिवा वांगडा तो

माळयेवेल्यावन देंवन आयलो. वरां दोन वरांचे इश्टागतीन ते युगा-युगाचे वांगडी जाल्ले. भायर सरतना "आमगेर केन्ना येता?" म्हूण लच्चणान ताका विचारलें. येवपाकय सांगलें. तांकां दोगांक पळोवन "पळयात ऐताळानूं, दोगूय इंग्लीशवाले एक जाले. तो म्हगेलो व्हड पूत सदाशिव. तोय ह्या वर्सा मॅट्रीकेक आसा. हाका लागून दोगांची रोखडीच इश्टागत जाली." वकिलान म्हळें.

ऐताळांनी नागवेणीलें जातक घरा हाडलें. राती मिणमिणपी चिमणे दिव्या मुखार बसून तें नियाळत 'हे चलयेक होच चलो' म्हळया निर्णयाक पावले. "वकिलानच मान्यताय दिल्या; आनीक कितें उरलें? चलयेक चल्यान पळयल्या. ताका विचारून तागेलें मत कळळें तर फाल्यांच उलोवणीं करपाक जातात" म्हूण थारायलें. ते रातीं घरांतल्यां कडेन "देवान सारकें चलयल्यार, लग्न जावन मात्यावेलें एक वजें उणें जातलें. फाल्या मुखाल्लें शिक्षण करपाक जाय जाल्यारय रावपाक एक बरो जागो मेळयावरीय जातलो. म्हातारपणांत तागेले चिंतेनच मरपाक जाय म्हूण ना" म्हळें.

'आपणाक थंय व्हेल्लें तें लग्नाचें थारावपाकच जातलें. पाडपडिल्लें जातक जुळना जाल्यार?' म्हूण लच्चा मनांत विचार करत आसतनाच सरसोती ताजे कडेन मध्यस्थ जावन आयली. "तूं आज गेल्लो न्हय पुता, त्या वकिलान सोयरिकेची खबर काडल्यार नाका म्हणूं नाका. कुळ, शील, आनी पैश्यान घट आशिल्लें असलें घर सोदल्यारय आमकां मेळपाचें ना" म्हूण तिणें म्हळें. "तुमी सांगतात त.का हांव ना कसो म्हणन?" म्हळी जाप आयली. जावं, पुताचें बरें जावपाचो योग आयला म्हूण तिकाय दिसलें.

दुसऱ्या दिसा जेवण जालें. म्हूर्त पळोवन, जातक घेवन ऐताळ ऐरोडी वचपाक परत भायर सरले. "हांव येवूं?" म्हूण विचारचें अशें लच्चाक दिसलें. कितें म्हणटात कोण जाणा म्हळळे भिरांतेन बापूय व्हाळा पलतडेन पाव मेरेन तो उदेंन्ते कडेन तोंड करून पळयत रावलो.

तेन्ना गेल्ले ते ऐताळ सांजे घरा पावले. आंगणांत पांय दवरतनाच पांया माती फाफडून "सत्या, सरसोती, देवान थारायिल्ले घटकेक सगळें आपुणच घडटा म्हळळें फट न्हय" म्हळें. "कितें तें?" म्हणत सगळीं जाणां थंय आयलीं. आयलो ना म्हळळो तो लच्चा मात. पूण तागेले कान मात हेवटेन आशिल्ले. "ही रजा सोंपचे आदीं लग्न जावपाक जाय खंय. शिवाय आपणाल्या जांवयाली जाप्रसालदारकी आपणारच पावली म्हूण वकिलान सांगलां" म्हळी खुशालकायेची खबर तांणी सांगली.

दुसऱ्या दिसाच पडुमुन्नूरा कोडी साकून खबर पावयली. थंयच्या म्हाताऱ्याकय खबर मेळळी. "लच्चाक हांगा धाडून दियात. म्हजे आनी कितले दीस उरल्यात? मंगळुरा गेल्यार तो परतो पाव मेरेन हांव उरत म्हळळें धैर्य ना" म्हळें. लच्चा आज्यालो आशीर्वाद घेवपाक गेलो. हे वटेन ऐताळागेर लग्ना तयारी सुरु जाली. माटोव, जमीन, पापड, वड्यो म्हणत बेगिबेगीं कामा जावपाक लागलीं. ऐताळाक आधार दिवपाक सुब्राय उपाध्यायान कंबर बांदलें. पारोती, सत्यभामा, सरसोती फुरसत नासतना वावराक लागलीं. लग्ना खबर भोंवतणच्या गांवांनी पावली. फकत ऐताळागेरचें लग्न जाल्यार येदो बोवाळ जाय नाशिल्लो. मंगळूरच्या वकिलाले चलयेचें लग्न; ऐरोडी गांवच्या व्हडागेरचें लग्न म्हळें नंतर ते खबरेक आगळेंच म्हत्त्व आयिल्लें.

हे खबरेन गांवच्या कांय जाणांक मजा दिसली. ती आयकून खोस जाल्लेय आशिल्ले. नाक मुड्डील्लेय आशिल्ले. 'जात सोडल्यारय हरकत ना, सुख मेळयलें' म्हणपीय आशिल्ले. 'ह्या भटुरड्याकडेन सोयरीक करपा इतलो वकिलाचेर प्रसंग आयलो काय!' म्हूण शीनमय्याक दिसलें. वासुदेवय्या मंगळुरांतलो नांवाक पाविल्लो वकील. आपणालो शेताचो दावो कुंदापुरांत आपणा आड गेल्यान आपील करपाक तेच वकील बरे म्हूण येवजिता आसतनाच ही सोयरीक जाल्ली शीनमय्याक बरी दिसली ना. तरी दाव्याचे रिकॉर्ड हातांत घेवन थंयच ते गेले. थंयचो माटोव, आनी लग्नाची तयारी पळोवन 'फाटलो फुडलो विचार कर नासतना ही सोयरीक केली कशीं?'म्हूण तांकां विचारपाचें धैर्य जालें ना. तशेच ते घरा परतले.

वकिला कडचो संबंद घडिल्ल्यान राम ऐताळांक हात राखून खर्च करप जमना जालें. तशें करपाचोय तांचो विचार नाशिल्लो. लग्न थारायिल्ल्या दिसाच तांणी जांवयाक, नातवाक बी आपोवन हाडले. घरांत आयिल्ले कडेन लच्चाय पयलीं भशेन वागलो ना. तागेल्या मनांत आशिल्ले भशेन सगळें जाल्ल्यान जायत, तो सगळयां कडेन बरे तरेन वागलो. पूण इंग्लीश नकळ आशिल्ल्या मेवण्याविशीं-सुब्बील्या घोवाविशीं-तागेल्या मनांत तशें आपलेपण अशें नाशिल्लें.

वैशाखांतलो कृष्ण पक्षांतलो सोमार आयलो. हंगारकट्टे व्हाळाचे दोनूय तडेवटेन फोगोटी, गर्नालांचो गडगडाट सकाळसाकून आयकूंक येवंक लागलो. दनपार जामेरेन रेशमी लुगटां आनी अनवाळे मुगटे शेता कुशीक दिसपाक लागले. उदेंन्ते दिकांतल्यान ऐताळागेर येवपी आनी अस्तमतेच्या वाठारांतल्यान उदेंन्तेच्या वाठारांत वचपी लोक सगळे वटेन दिसपाक लागले. शीनमय्याक दोनूय वटेन आपोवणें आयिल्लें. तांकां वचपाची इत्सा नाशिल्ली. वचनासतना रावपय समा जायना. अशें म्हूण ते न्हवरेकारागेर जेवणाक वचनासतनाच सांज जावचे पयलींच वकिलागेर वचून व्हंकलकारागेरचे जावन बसले.

सांजे न्हवऱ्यालें दिबण भायर सरलें. गांवांतलो दौलतीचो गडगड भायर सरिल्लो. आवाऱ्यावेले दोंगुल्ले साकून व्हाळातडे मेरेन दिबणांतले लोक, वाजंत्री, छत्र, चंवर, तोरण धरपी, मेणो, पालकी धरपी, इतलेंच न्हय, तर वकिलाले आज्ञे प्रमाण तांणीच धाडून दिल्लें उडपीचें बँडय आशिल्लें! बँडच न्हय, तर हतीची जोडी आसपाक जाय म्हूण वकिलाल्या नाराणय्या ह्या भावान सांगिल्लें. ऐताळान ''जायत, म्हजो एकच चलो'' म्हूण मठांतले दोन हतीय हाडिल्ले. व्हाळा पलतडीं सगळे पावले. ते त्या हतीं वांगडा गोधुळीच्या म्हुर्ताक लग्ना माटवा वटेन वचपाक लागले. ऐताळांनी दोन-दोन पटी शीनमय्याक आपोवणें धाडलें. पूण ते घरांत नात म्हूण खबर आयली.

वकिलाल्या घरा मुखाल्ल्या साठ कुणग्यां शेतांत तीनसांजच्या वेळार दोनूय बाजूची दिबणां सामखारा आयली. व्हंकलकारागेरचीं बायलां न्हवरेकारा मुखार पावली. इतल्यांत दोनूय वटेनच्या वाजंत्री, बँडांचो आवाज गडगडलो. फोगोटी, गर्नाल, वाजून झुजा मळाची याद जाली. जे जे तरेचें दारुसामान हाडिल्लें त्या सगळ्याचो गोबोर जालो. तें सगळें सोंप मेरेन शोडषोपचार सोंपयले. त्या वेळार दोनूय वटेनच्या सवाशिण्यांनी पदांचो पावसच उडयलो.

सोयऱ्यांनी माटवांत पांय दवरलो. थाटान सोबयिल्ल्या त्या माटवांत पळयता थंय

तांबश्या नाल्लांच्यो पेंडी, फोपळा पेंडी आनी केळी घडाय! सगळया खांब्यांक आंब्या पानांची आनी तळटमाडा चुड्टांची सोबाय! जमखान आनी गाद्यो पातळिल्लो माटोव, रंगरंगयाळयो बावल्यो चितारिल्लो मंटप! वकिलान मंटप करपाक उडुपींतल्यान लोक हाडयिल्ले. इतलेंच न्हय, तर उडुपींतलो कृश्णीलो मेळय आयिल्लो. ह्या मेळाचो पयलो मान दिबणाचे यजमान आशिल्ल्या राम ऐताळांकच मेळपाक जाय न्हय? ऐताळाल्या जल्मांत पयलेच खेप तांकां "दौलत जादा" मेळ्ळो. ह्या दबाज्यान खुशालभरीत जाल्लो लच्चा लग्ना मंटपांत पावलो. होम पेटून सगळे वटेन धुकट जाल्लो. मुखार बशिल्ल्यांक आयण्याचो वारो बी मेळ्ळो, गुलाबा उदाक बी मारलें. साखरे पानक चांदी पेल्यांत दिलें. घरचेच आशिल्ले गांवचे मुखेल नारायणय्या लग्नाची वेवस्था पळयताले. आनीक कितें जाय?

बायलांनी "जनकरायाल्या मिथिलापुरांतू..." म्हणपाक सुरवात केली. एक खीणभर शांतताय पातळळी! 'कट्कड' करून जाल्ल्या जोगला गडगडाटान भटांगेलो आवाजच थांबलो. मंटपांतल्या धुकटान माटवांतल्या उजवातींचो धुकट लिपयलो. वारो येवन माटोव धुल्लान भरलो. "कितें हें" म्हूण पळोवपाक नारायणय्या भायर आयले. मळब काळें जाल्ले, जोगूल थांबनासतना झगझगतालें! तेन्ना माटवांत बशिल्ल्या ऐताळान "देवा, तूं राखचो ना!" काय म्हळें. नारायणय्या रोखडेच तांचे कडेन आयले आनी कानांत, "पावस येतलो दिसता; तुमी दक्षिणा दिवपाक लागात. म्हुर्ताक तशी अडचण जावपाची ना. वयर पावस भरला. पावस व्हड जावन लग्नाक आयिल्ल्यांनी व्हंकल-न्हवऱ्याक आशीर्वाद दिन्नासतना रित्या हातान वचचें न्हय" म्हळें. माटवांत वायुवेगान मंत्र म्हणपाक लागले. वकिलान व्हंकलेक हाडून अंतर्पाटा मुखार दवरतना पावसाचे थेंब टपटपले. लच्चाल्या गळयांत माळय पडली. ताणेंय व्हंकले गळयाक खोशेन माळ घाली.

ऐताळान दुडवांचें परात घेवन सगळयांक दक्षिणा दिता आसतनाच माळ पडिल्ली पळोवन 'आतां भिरांत ना' म्हळें. त्या दिसा गांवांतले भशेन अडेच आणे दिनासतना प्रत्येक घराक तीन आण्या प्रमाणे दक्षिणा दिली. गिरेस्तांक एकेक पावली दिली. 'जावं, ऐताळांनी व्हडा-व्हडांक लजयलें!' म्हूण म्हणटा म्हणसर लग्ना माटोव हुंवारा उदक भरिल्ल्या शेताभशेन जालो. पूण लग्नामाटवांतलीं मुखाल्ली कामां चलत उरलीं. माटवांतल्या हेरांनी मात हें घर, तें घर, गोटो, चौकी म्हूण मेळटा थंय वचून एक वर मेरेन राविल्ले कडेनच कुडकुडत काडले.

सरसोती अर्द भिजिल्ली आसली तरी पारोती वांगडा लच्चा म्हऱ्यांत रावन लग्नाचो थाट पळोवन तृप्त जाली. ती थंयच रावन कुशीक पळयत "तरी पारोती, अण्णाल्या जातकांत हो पावसाचो योग सदांच आसा म्हूण दिसता" म्हळें. पारोतीक आपणाल्या लग्नाचे दीस येवजले. "तेन्नाय देवान अशेंच घडयलें. आतांय तशेंच घडयलें" म्हळें.

लच्चा आनी नागवेणीन पाटावेल्यान उठच्या वेळार पावस पुराय थांबिल्लो. लग्नाक आयिल्ले लोक परतले. ऐताळान घरा पावतना मध्यानरात जाल्ली. दिबणांतल्या परतुवपी लोकांक पळोवन नितळ चान्नें हांसतालें.

लग्नाचे चार दीस मजेंत गेले. व्हंकल-न्हवरो घरांत पावन घर भरलें. हें लग्न जाले नंतरच ऐताळ पुताकडेन बरे तरेन उलोवपाक लागले.

पंदरा दिसांनी रजा सोंपतली. लच्चा कॉलेजांत वतलो जाल्यार चार दीस आनीक

मेळटले. तो वेळ मेरेन ताका काम कितें? न्हंयचे ते वटेसून हे वटेन, हे वटेतसून ते वटेन वचून येवप. जाणटेपणाक लागून येवपाक जमलें नाशिल्ल्या आज्याक मेळपाक म्हूण तो नागवेणीक घेवन थंय गेलो. तो वेळ मेरेन तिजेकडेन उलोवपाक ताणें केल्ले सगळे यत्न फुकट गेल्ले. ती लजे गुळो आशिल्ली. सदां बायलांतच उरताली. शास्त्रविधी वेळार मात घोवा वांगडा बसताली. तेन्नाच दोगांय एकमेकांक चोयतालीं. लच्चाक उलोवपाची उमळशीक आशिल्ली. पूण मोन्याभशेन नागवेणीलें तोंड उगडनाशिल्लें. कोणूय नासतना तिजेकडेन उलोवया म्हळयार ती घटकाच आयली ना. कोणूय ना जाल्यार तागेलो उत्साह ना करपाक सदाशिव पावतालोच.

आज्यागेर वचपा वेळार मात ताका जाय तशें जालें. बायलेक घेवन व्हड्यार बसून तो तोन्से मेरेन गेलो. घरा पावमेरेन वाटेर उलयत गेल्यार कोणूय कितें म्हणत म्हळ्ळी भिरांत नाशिल्ली. व्हड्यान तड सोडली तसो तो नागवेणी कडेन पळोवन हांसलो. तीय तकली सकल घालून हांसली. "तूं मोनी तर?" ताणें म्हळें. "तुमीय!" तिणें म्हळें. तोन्सेची तड यो मेरेन तीय उलोवपाक फाटीं उरली ना. घोवाकडेन उलोवपाची तिकाय इत्सा जाल्ली. पूण सगळयां मुखार मान वयर जायना, उतरय फुटना अशें जाल्लें.

लच्चाक आज्यागेर वयर वयर केलें. नातवाली बायलय तांची मोगाची जाल्ली. "तिगेल्या नशिबांत हें जोडपें पळोवचें ना जालें न्हय!" म्हूण मादप्पय्याक मेल्ले बायलेची याद येवन वायट दिसलें. आज्याल्या आगऱ्याक लागून, थंय मेळिल्ल्या मेकळया वातावरणाक लागून, लच्चा थंय चार दीस नागवेणी वांगडा रावलो. घरच्या देवकाऱ्या खातीर ऐताळांनी तांकां आपोवणे धाडले उपरांत उपाय ना म्हूण तो घरा आयलो. घरा आयल्या उपरांत नागवेणील्या तोंडाक परतें कुलूप लागले.

तरी देवकाऱ्याक आयिल्ले लोक परतले तशें तिका दर्या वेळेर घेवन वचपाची ताका उमळशीक लागली. निमताक सदाशिवाक आपोवन "दर्यावेळेर वचया" म्हळें. तो न्हय तर कोण येतलो? ताज्या कानांत ल्हवूच "भयणीकय यो म्हूण सांग" म्हळें.

मदेस्ताचो उपयोग जालो. नागवेणी भावा वांगडा उलयत भायर सरली. लच्चण्णा तांचे परस आदीं वचून वेळेर वाट पळयत बशिल्लो. पूण कोडींतल्या लोकांक दोळे नात तर? ती खबर घरामेरेन पावली. सरसोतीन ताजेकडेन येवन "हें कितें पुता? लग्न जाल्ल्या आठ दिसांतच बायलेक घेवन अशें सगळयाक फिरप! गांवचे कितें म्हणटले?" म्हळें. ऐताळान रागान "आतां चोरडांक मानमर्यादा ना! आमगेली पारोती घरा येवन एक वर्स जाल्लें तरी हांव तिजेकडेन उलयलो ना" म्हळें.

पावसा वारे येवन वैशाखांतले वत उणें जालें. घरच्यां सयत वकील मंगळूरा वचपाचे तयारेक लागले. ऐताळागेर एक दीस सदाशिवान येवन "तुमगेल्या लक्ष्मीनारायणाक आमच्या वांगडा धाडून दिया म्हूण बाप्पान सांगलां" म्हळें. लच्चा तेच गोड घडणुकेची वाट पळयतालो. त्या दिसा ऐताळ सदाशिवा वांगडा वकिलांक मेळपाक भायर सरले. "लच्चान घरजांवय जावन मंगळुरांत शिक्षण घेवचें आनी तो एफ्. ए. जाल्या उपरांत मुखाल्लो विचार करचो" म्हूण थारायलें. ऐताळांच्या मात्यावेलें एक वजें देंवलें. "चल्यांत शाणेपण ना; तुमीच तागेले आवय बापूय. चुकल्यार ताका बुद्द सांगून सांबाळात..." म्हूण ऐताळान म्हळें. वकिलान हांसत "ऐताळानूं, म्हजे धुवेचें हीत हांव नकळं?" म्हूण जाप दिली.

ऐताळांचें तोंड उतरलें. 'पूत म्हजी मर्याद दवरतलो काय काडटलो कोण जाणा!' म्हळळया विचारान तांकां भिरांत दिसली.

लच्चा परत आजोळा वचून आयलो. हे पटी मादप्पय्यान ताका वेंग मारली. "लच्चा, बऱ्या घराण्याचो संबंद घडला. तूं आतां व्हड जाला. तुजें घराणेंय व्हडलें! कळळें मरे? आतां तरी भुरगेपणा सोडून बुदवंत जावन, घराण्याक तुवें नांव मेळोवन दिवपाक जाय... तूं परतो पाविल्ल्या वेळार हांव उरतलों काय ना कोण जाणा..." म्हूण सांगून ताका घरा धाडलो.

तांणी म्हळळें सामकेंच खरें जालें. लच्चा मंगळूरा गेलो. हे वटेन पावसाळोय धरलो. दीस रात दर्याच्या आवाजान कान केप्पे जाताले. गांवांतल्या नाल्ला माडांक मान हालोवन हालोवन आपणालें आंग सामकेंच दुखोवन घेवचें पडलें. न्हंय तांबडी माती हाडून हाडून दर्यांत उडोवपाक लागली. त्या पिरपिरी पावसांत मादप्पय्यान थंडे जोरान हांतुळण धरलें. ताकां थंडी, कफ चड जावन एका सप्तका भितर तांणी हो संसारच सोडलो. निमण्या वेळार तांचे कुशीक सत्या, सुब्बी, तिजो भुरगो, ऐताळ हे सगळे आशिल्ले. मादप्पय्यालो चलो त्या वेळार सामकोच बाबडो जाल्लो.

लच्चा कॉलेजांत गेल्ल्या एक सप्तकांत आज्याल्या मरणा विशींची चीट ताका पावली. "म्हजो पडुमुन्नूरचो रुणानुबंद आतां सोंपलो. थंय आसा तो मामा; म्हाका पळयल्यार ताका तितलो पुरतोच मोग" लच्चान म्हळें.

हें जाल्ल्या उपरांत एक म्हयनोय सोंपलो ना. लच्चाक ऐताळाकडसून चीट आयली. "पुता, तुगेले व्होडाम्मान कांय दिसा साकून हांतुळण धल्लां. तुका पळोवपाची तिका खूब इत्सा जाल्या. नवरात्री वेळार तुका रजा आसल्यार घरा यो. त्या आदीं येवपाकच जाय म्हळळी भिरांत कांय ना" म्हूण बरयिल्लें. त्या एका खिणा पुरती तरी ताका व्होडाम्माल्या मोगाची याद जाले बगर रावली ना. त्या उपरांत ताणें घरा येवचेंच पडलें. घरसून तार आयिल्ली. घोड्या गाडयेर बसून गांवा पाव मेरेन पारोतीचे दीस सोंपिल्ले.

मरणा घटके वेळार ऐताळ, सत्या, सरसोती हांणी तिगेली खूब सेवा केली. आपणें तिका जाय ते पटीं उलयिल्लीं कडू उतरां येवजून ऐताळांक रडपाक आयलें. "म्हाका लागून तुका खूब सोसचें पडलें..." म्हूणय तांणी म्हळें. तांक नासली तरी ती निमाणो वेळमेरेन सुद्दीर आशिल्ली. "तुमी अशें उलोवचें न्हय... तुमी सत्याक घरा हाडना जाल्यार म्हगेलें स्राद्ध कोण वाडटलो आशिल्लो!" अशें तिणें म्हळें. दुसऱ्या खिणाक "लच्चा आयलो?" म्हणूनय विचारलें. "येतलो" म्हळळी जाप मेळळी. तिजो जीव वयर सकयल जाता तें पळोवन सरसोतीन "पारोती, तोंडांत इल्लें तीर्थ घालूं? 'नारायण' म्हणपाक ताकत आसा?" म्हूण विचारलें. तिजी नदर सरसोतीचेर थिरावली. "म्हणटां... म्हजे जिबेंतल्यान येना जायत तर तूं कानांत म्हण..." म्हळें. त्या वेळार तिणें तोंडान कितें तरी उलयिल्ले भशेन दिसलें. "कितें? खंयची इत्सा उरल्या तुजी?" सरसोतीन विचारलें.

"इत्सा कांय ना."

"लच्चा?"

"न्हय. ते म्हजी तकली आपणाले मांडयेर दवरून घेतीत?" म्हूण तिणें क्षीण आवाजांत विचारलें. सत्यभामा तेन्ना मुखारच आशिल्ली. ऐताळ देवाकुडींत जप करत आशिल्ले. त्या

खिणाक सत्यभामेक "म्हाका लागून हो जीव कितलो कश्टेलो! कितलें मोन्यांनी सगळें सोंसलें आसत तिणे!" म्हूण पोटांतल्यान कळवळो आयलो. घोऽऽ करून रडत घोवा कडेन वचून तिणें "बेगीं या, तांचें सोंपत आयलां. तुमी आपणाली तकली मांडयेर घेवपाक जाय म्हूण आक्काक इत्सा जाल्या" म्हळें.

ऐताळांचो जप करपी आवाज थरथरलो. ते पारोतीकडेन धांवत आयले. ते घटकेक तिगेली जीब जड जाल्ली. दीर्घ स्वास भायर सरिल्लो. तरी पूण, आपणाली तकली उखलून मांडयेर दवरून घेवन नारायण स्मरण करपी घोवालें तोंड ती पळयत रावली. सरसोतीन गंगोदक तिगेल्या तोंडांत घालें. पांयां कडेन सत्यभामा वचून बसली. पारोतील्या तोंडार शांतताय उदेली. "म्हाका आनीक कितें जाय!" म्हळ्ळो भुरग्या हांसो उक्तावपी भाव तिगेल्या ओंठार दिसतालो.

सगळो एकूच खीण! दुसऱ्याच खिणाक सगळें घरच घोऽऽ करून रडलें. सरसोतीक रडपाकय जायना जालें. आपणाल्या पोटांतलो उमाळो तिणें हातान अडचून धरलो. तिगेल्या मनांत "म्हगेले जिणेंतले तेलच सोंपलें, आंतां हांवें जगप कित्याक?" म्हूण दिसलें.

शेजारचे, गांवचे आयलें. आयिल्ल्या जण एकल्याच्या तोंडांतल्यान "पुण्य केल्ली" म्हळ्ळेंच उतर भायर सरतालें. लाकडार कुराड पडटा आसतना ते वटेन मंगळूरच्यान येवपी लच्चा खरशेत, धांवत आयलो. घरा पोरसांत पावचे पयलींच बोब आयकून "जिती आसतना तिका पळोवपाचें म्हज्या नशिबांत नाशिल्लें" म्हूण रडतच तो भितर सरलो.

मुखाल्ले तेरा दीस मेरेन खर दुःख म्हळयार कशें आसता हाजो अणभव लच्चण्णाक आयलो. आंगणांत गेल्यार, तळयार पावल्यार, कुळदा शेतांत गेल्यार, उंडी झाडा पोंदा गेल्यार वता थंय पारोतीचेंच रूप सगळयांच्या दोळयां सामखार दिसतालें.

O

16

लच्चा मंगळूरांत परत येवन आपणाल्या एफ्. ए. अभ्यासाक लागलो. त्या नव्या वातावरणांत, आपूण व्हड जाला अशें ताका दिसपाक लागिल्ल्यान कोणेंय 'लच्चा' म्हळयार ताका राग येतालो. आपणाक लक्ष्मीनारायण म्हूण आपोवपाक जाय अशें ताका दिसतालें. तरी तागेल्या एका मेवण्याक, सदाशिवाक, 'लच्चा' म्हणपाचे स्वातंत्र्य आशिल्लें.

लच्चाक मांवागेरचो आदर सत्कार बरो आवडलो. शिवाय तागेलो मेवणोय रसीक, उलोवपाक हुशार. तागेल्या मस्कऱ्यांक ताळमेळ नासतालो. तागेली मस्करी आपणाक लागसारकी नासताली तो वेळमेरेन लच्चाक ताजें कांय दिसनाशिल्लें. पूण कोणेंय फकाणां केल्यार मात तो वागा भशेन आंगार वतालो. हें गूट सदाशीव बरो जाणा जाल्ल्यान तो वेळ पळोवन लच्चालीं फकाणां करतालो. तो रागार जालो तसो धांवत वचून भयणीक आपोवन "तुजो घोव आपयता" म्हूण सांगतालो. नागवेणीन येवन "तुमी आपयिल्लें खंय" म्हूण ताजेकडेन हांसत उलयल्यार ताजें तोंड वांकडें जातालें तें पळोवन सदाशिवाक आनिकूय हांसपाक वाव मेळटालो.

नागवेणीली संगत लच्चाकय बऱ्याक पडटाली. आपणें उरचें मांवागेर. मांव एक व्हड वकील. तांगेल्या नांवाक आशिल्ल्या गडगडाक लागून, किट्टु उपाध्यायाक भिसडावन रावतालो तशें हांगा रावप साध्य नाशिल्लें. इतलेंच न्हय, तांचेकडेन दुर्लक्ष केल्यारय जायनाशिल्लें. मनांत आसूं, नासूं, तांच्या घरात घरचो जांवय म्हूण राविल्ल्यान मोन्या मांजराभशेन रावपाक जाय. मनाक येता तशें भोंवप, इस्पिकांची मजा, ह्या कसल्याकय वाव ना. ताका सुरवातेक हें सगळें अडचणेचें दिसतालें 'ह्या मावाल्या उपकारात रावचे न्हय; खंचेय तरी हॉटेलात रावचे' अशें दिसताले. पूण तशें जाल्यार नागवेणी कडसून पयस रावचें पडलें ना? आपणाली तुस्त करपाक, मेकळया वेळार उलोवपाक, आपूण हुशार म्हूण आपणा कडसून ल्हिणें शिकून घेवपाक ती जाय आशिल्ली. सदाशीव हाजे परस बुदवंत आनी चलाख आशिल्लो. दोगूय एकाच वर्गांत शिकताले. पूण नागवेणी पयले यत्तेक आशिल्ली. आपणाक कळना तें शिकून घेवपाक कोण तरी जाय आशिल्लो. ती घोवाकडेन विचारताली. ती जावन येना जाल्यार लच्चा आपूण जावन तिजे कडेन वचून "आयचो अभ्यास जालो? कितेंय विचारपाचें आसा?" म्हूण विचारतालो. लागीं सदाशिव ना हाजी खातरी जातकच तो अशें करतालो. कारण तो आसल्यार "ए नागवेणी, तुगेल्या घोवाक कितें कळटा म्हूण तूं ताका विचारता? हांगा यो, हांव शिकयतां" म्हूण मस्करी करतालो.

दोन वर्सां मेरेन हें मांवागेर रावप म्हळयार ताका पांजऱ्यांत राविल्ले भशेन जाल्लें. केन्नाय हॉटेल पळयलें तशें भितर पांय दवरया अशें दिसतालें. खिश्यांत हात घालून पळोवपाक धैर्य ना! फट सांगून मांवाक लुटया म्हळयार वांगडा सदाशिव आसता. जाय

तो पैसो ताका विचारनासतना मेळटालो. अशें आसतना जास्त कितें मागतलो?

तागेलें दुसऱ्या वर्साचें शिक्षणय सोंपलें. तो घरा आयलो. भायर सरतना "येता?" काय म्हूण नागवेणीक विचारलें. "येतां, पूण बापायक विचारात" म्हूण तिणें म्हळें. बायलेक वांगडा धाडून दी म्हूण मं‍‍‍‍कडेन सांगपाक ताका धैर्य जालें ना. कारण थोड्या दिसांत तेय गांवा येवपाचे आशिल्ले. 'तुका इतली ताकतीक कित्याक' म्हळयार? मांवागेरच्यान वचचे आदल्या दिसा तो फुगून बसलो. नागवेणीक वायट दिसलें. तिणें बापायकडेन वचून "बाप्पा, तुवें गांवां वचपाचें केन्ना कोण जाणा? हांव तांचे बरोबर वचूं?" म्हूण ल्हवूच विचारलें.

वासुदेवय्यान "नाका बाये; तुवें म्हज्या वांगडा गेल्यार जालें" म्हळें. "कित्याक?" म्हूण विचारचो प्रसंग आयलो ना. वकिलानच मुखार सांगलें "तशें ताज्या वांगडा गेल्यार तागेल्या बापायक बरें दिसपाचें ना. ते सगळे फाटले पद्धतीचे लोक. रजेंत घरा गेल्ल्या वेळार फोळशेपण करून उडयल्या उपरांत मुखार कशेंय केल्यार जाता" म्हळें. आपूण न्हावपाक लागलां म्हळ्ळें येवजून नागवेणी ओगी रावली. लच्चण्णान वचपाक भायर सरतना "तुका तुगेलो बापूयच जाय; हांव तुका नाका न्हय?" म्हूण उतर मारून तिका दोळयांत उदक काडपाक लायलें. तिका खूब वायट दिसलें. तो गांवा गेल्ल्या दुसऱ्याच दिसा आपणें येनासतना राविल्ल्याचें कारण घोवाक तिणें बरोवन क..‍यलें.

त्या उपरांत एका सप्तकांतच वकिलागेरचीं आपणाल्या गांवांत आयलीं. घरांत एकटोच बसून दीस काडत आशिल्लो लच्चा, मांवागेरचे गांवांत आयल्यात म्हूण कळनाफुडें खोशयेन धांवत मांवागेर गेलो. भयणीकडसून पयलीं सगळें कळिल्लो सदाशिव मेवण्याक येवकार दिवपाचें सोडून "कितें, भावोजीलो राग देंवलो?" म्हूण मस्करी करपाक लागलो.

रजेतच परिक्षेचो निकाल आयलो. सदाशिव एफ्. ए. त पयल्या पावंड्यार आयिल्लो. लच्चाक दुसरो पावंडो मेळिल्लो. कोडींत ही खबर पावली. राम ऐताळांक खोस जाली. ते वकिलागेर येवन "सगळो तुमचो उपकार, तुमगेले धुवेलो हात धरिल्ल्याचें लक्षण" म्हळें. लच्चा थंयच आशिल्लो. असलें उलोवणें लच्चाक आवडले ना. पूण तांचे सामखार उलोवपाची ताका धिटाय नाशिल्ली. इतल्यांत जाणट्यांनी फोळशेपणाचो प्रस्न काडलो. ऐताळान "जावं तें हे रजेंतच. फाल्यां खंयच्या गांवांत शिकपाचें पडटलें कोणा खबर! आतां काळचीं भुरगीं! आड वाटेक वचपाक जायना" म्हळें.

हे रजेंत लच्चा खोशेन नाचतालो. व्हाळा पलतडेन आनी आलतडेन सदां तो वचऱ्यो करतालो. सरसोतीन एक दीस ताजेकडेन "नागवेणीक आपोवन तुवें हांगा चार दीस बरें करून रावल्यार जायना? तुमी मजेंत आशिल्लीं आमी दोळे भरून पळोवचें नाका? म्हळें. "जाता, पूण ती वकिलाली चली. थंय खाण, जेवण, अर्थ उपचार बरे तरेन जातात. हांगा आयलीं तशें तुमी आयदना घांसपाक तिका लायल्यार?" म्हळें. सरसोतीन हांसत "तुगेले आवयक विचार; ती पयली आयिल्ल्या वेळार तिका कितलें काम करपाक लायिल्लें तें! तिणें जावन काम करपाक सुरु केले शिवाय आमी तिका करपाक लायलें ना" म्हळें.

"शिवाय तुगेले बायलेक कितें, कितें जाय ते सांग, करया. पूण तिणें तिनशें साठय दीस तांगेरच रावप समा न्हय."

सरसोतीन जें सांगलें तें लच्चान मनार घेतलें ना. ऐताळा कडसून ताका सांगपाक जाय म्हूण तिणें येवजिलें. ऐताळांनी लच्चाकडेन सांगनासतना ऐरोडीक गेल्ल्या वेळार "वकीलानूं आमगेर एक आठ दीस नागवेणीन रावपाक आयल्यार जातालें" म्हळें. लच्चा थंय लागींच आशिल्लो. वकिलान ताजे मुखारच "आठ दीस कित्याक? म्हयनो भर रावल्यारय जाता. मंगळूरा वचपा वेळार घरा आयल्यार पुरो. हें सगळें आमकां कित्याक विचारप? तुमगेलीच सून न्हय ती?" म्हळें. नागवेणीक लच्चागेरचीं कशीं आसात तें पळोवपाची इत्सा आशिल्ली. ती मांवाफाटल्यान त्याच दिसा व्हाळा आलतडेन कोडींत आयली.

नागवेणी फाटल्यान लच्चाय आयलो. आपणाले बायलेक आपोवन हाडपांत आपणालें म्हत्त्व उणें जाल्लें ताका बरें दिसलें ना. पूण बापायनच हें सगळें केल्लें देखून ताका तोंड बंद करून रावचें पडलें. तिका मांयगेर कसलेंच उणें पडलें ना. "हांव दूद काडटा; हांव जमीन पुसतां" म्हूण तीच जावन कामाक वताली. एक पटी, "आत्या, सुब्बीआक्का कडेन म्हाका उलोवपाकच मेळळें ना. हांवें मंगळूरा वचचे पयलीं तिका आपोवन हाडल्यार जातालें" म्हूण तिणें म्हळें. तिणें लच्चाकडेनय तशें म्हळें, "तुमगेले भयणीक हांवें पळोवचें नाका?" लच्चान "तिकाय तुजे भशेन दोन दोळे, दोन पांय!" म्हूण जाप दिली. नागवेणी शाळेंत पांय दवरिल्ली. ती उलोवपाक हुशार. "तशें म्हळयार, म्हजे भशेन दोन दोळे आशिल्ल्यांक हांवें पळोवचें न्हय अशें जालें!" तिणें जाप दिली.

लच्चाक मंदर्तीक भयणीगेर वचचेंच पडलें. ताका चमकत वचप मनांत नाशिल्लें. कितें करप? ऐताळान जावं, सरसोतीन वचून येवचें म्हळयार नागवेणीक तें नाका आशिल्लें. तांचें वय पळोवन तांकां तशें सांगपाचें तिका मनांत नाशिल्लें. अशें जाल्ल्यान थंय वच म्हूण ती घोवा फाटल्यान लागली. राम ऐताळांच्या कानार ही खबर पडली. "सरसोती, गोविंद व्हडेकाराक सांग, सुक्र उदेतनाच लच्चा, नागवेणी दोगांय व्हड्यार बसून बारकूर मेरेन वतलीं. मुखार गोविंद तांकां थंय मेरेन पावोवन येतलो. तांगेर चार दीस रावन आयल्यार पुरो. येतना सुब्बीक आनी तागेल्या भुरग्याक आपोवन घेवन येतलीं' म्हळें. वकिलागेर दोन वर्सां राविल्ल्यान लच्चालो थंडेल्लो आवाज आतां चड भायर येनाशिल्लो.

दुसऱ्या दिसा सक्काळफुडें दोगांय प्रवासाक भायर सरलीं. फकत मंगळूर ते ऐरोडी भोंविल्ले नागवेणीक खंय तरी दुसरेकडेन वचपाक जाय अशें दिसतालें. नवो गांव पळोवपाक खोस दिसताली. नवी वळख जावची अशें दिसतालें. लच्चाक तशें कांयच दिसनाशिल्ले पळोवन "हय म्हळयार, तुमी सगळें पळयलां. म्हाका तशें न्हय. सगळें पळोवपाची म्हाका इत्सा आसा" म्हूण तिणें म्हळें. व्हड्यातलें भोंवडेन तिज्या मनाक धादोसकाय मेळळी. "मंगळुरांत ही सोबीतकाय खंय आसा? असली सुंदरताय, असलीं भाटां!" म्हूण नागवेणी तोखेवपाक लागली. सकाळ जा मेरेन व्हडें बारकुराक पावलें. गोविंदान तांकां वाट दाखयत सोयऱ्यागेर मेरेन पावयले. नागवेणी पावला पावलाक 'हें कितें? तें कितें?' म्हूण विचारताली. वतना वाटभर दिसपी जैन मठ, देवळयो, तळीं, रस्ते तिचे नदरेंत भरताले. गोविंदान आपूण जाणा जाल्ल्यो खबरो तिका सांगल्यो. लच्चान मात "तुका तो सगळो अधिक प्रसंग कित्याक? ...त्या पडिल्ल्या देवळांत आसा तरी कितें?" म्हूण आपणालें घोवपण दाखयलें.

उजवाड जावन एक घटका जा मेरेन बायले वांगडा लच्चा भयणील्या घरा सामखार पावलो. त्या दिसा घराक उडुपीच्या उत्सवाचो रंग आयिल्लो. लच्चाली फाटली वागणूक पळोवन आयकून जाणा जाल्ल्या मेवण्याक आनी सुब्बीक, ताणें आपूण जावन आयिल्ले पळोवन खोस जाल्ली. नागवेणीक कोणेंच केलो ना तितलो आदर सत्कार मेळ्ळो. दोन तीन दीस मेरेन तरी त्या दोगांक थंयच्यान वचपाक मेळसारकें नाशिल्लें. मंदर्तिच्या देवळांत दशावतार मेळ आयिल्ले. मेळ सोंपच्या वेळार थंय निमाणो खेळ करपाचो आशिल्लो. नागवेंणीन भुरगेपणांत दशावतार खेळ पळयिल्लो खंय; त्या दिसा तो परतून पळोवपाची इत्सा तिका जाली. दोळ्या पाती धांपनासतना एक रातभर घोव, नणडावो आनी नणडेवांगडा तिणें तो पळयलो.

नागवेणीक भोंवतणचें रान, दोंगर आनी माकडांचें राज्य पळोवन "कितलो चंद गांव हो!" अशें दिसलें. स दीस मेरेन तीं थंय रावलीं. त्या उपरांत सगळीं घरा परतलीं. तांच्या वांगडा सुब्बी आनी तिगेलो चार वर्सांचो पूत सण्णा कोडींत आयलो.

त्या दिसा सरसोतीक आनी सत्यभामेक समाधान जालें. लच्चाक देवान बरी बुद्द दिली अशें दिसून, "हो वेळ पळोवपाक पारोती आसल्यार बरी जाताली" म्हणत सरसोतीन दोळयांत उदाकय काडलें.

मे रजा वाऱ्याभशेन उडत गेली. फाल्यां दीस उगडल्यार जून म्हयनो येता. वकील मंगळूराक वतले. आपणेंय मुखाल्ल्या शिक्षणा खातीर थंय वचपाक जाय आशिल्लें. नागवेणीन मुखार कितें करचें तें ताका कळना जालें. ऐताळान "तिणें अशे कितले दीस बापायगेर रावप? तिका पोसपाक आमकां तांक ना? पयलीं जाल्यार वेगळें आशिल्लें; आतां फोळसेपणय जालां" म्हळें. हाजे वेल्यान लच्चालें मुखाल्लें शिक्षण मंगळूरांत जावपाचें ना हें थारिल्ल्या भशेन जाल्लें. ताका मद्रासाक धाडपाचें वकिलान थारायिल्लें. ऐताळांनी "जायत" म्हळळें. एक वेळा उदेवन मातयेभरवण जाल्ली तांची आशा परतून किल्लता अशें तांका दिसपाक लागलें. आपूण मुखार व्हड वकील जातलों म्हळळी आशा लच्चाकय आशिल्ली. पूण एकच चिंता ताका सतायताली. नागवेणीकडसून आपणें पयस रावपाचेंच आसत जाल्यार तिणें मंगळूरांत रावपाचें ताका मनांत नाशिल्लें. "ती तिसरी यत्ता पूर्ण करूं" ताणें म्हळें. "बायलांक इंग्लीश कित्याक कर्माक?" म्हूण ऐताळान म्हळें. सरसोतीन मदींच येवन "नागवेणी भायर जाली ना" म्हळें. हाका लागून मुखाल्लो निर्णय तितल्यारच उरलो. वकिलान "धुवेक मंगळुराक धाडल्यार बरें जातलें" म्हळें. ऐताळान "जायत" म्हळें.

बी. ए. शिकतल्यांक आनीक म्हयनोभर रजा आशिल्ली. ती रजा मंगळुरांत काडपाची लच्चाक इत्सा आशिल्ली. तो मांवा वांगडा मंगळूरा वचपाक भायर सरलो. गांवांतल्यान वतना "एक दमडी जाय जाल्यारय हांवें मांवाले तोंड पळोवप सारकें जावचे ना. बि. ए शिकपाक खूब पयसो लागता. तांचेर सदाशिवाचीय जबाबदारी आसा" म्हूण लच्चान बापायक शिटकायलें. ऐताळ ल्हानाकडसून बुदवंतकाय आयकुपाक तयार नाशिल्ले. "पयशांक लागून शिक्षण पाड पडचें ना" म्हूण तांणी म्हळें. आपणा विशीं बापायक अजून अभिमान दिसना म्हूण लच्चाक वायट दिसलें.

ऐताळाल्या घरांतलो बोवाळ सोंपलो. लच्चा आनी नागवेणी मंगळूरा गेलीं. घरांत

आयिल्ली धूव पुताक घेवन घरा पावली. परतून हांगा तिगांच उरलीं. सरसोतीन "ह्या घरात आमी तिगांच हिशोबांतली!" म्हूण हांसत म्हळें.

राम ऐताळान हालीं पैसल्या घरांतली पुजा सोडिल्ली. "म्हज्यान न्हंयतल्यान वचपाचें चलपाचें हाजे मुखार जावपाचें ना. कोण ह्या वयांत चलत मरतलो?" म्हूण ते म्हणपाक लागले. घरांत सामकोच बेजार आयिल्ल्या वेळार "सत्या, हांव काम नासतना केन्नाच रावपाक शकना. घरचें शेतकाम करचेंय त्रासांचें जालां. नांवाक मात रोवपाचें चल्लां. जांवयान केल्ल्या आगऱ्याक लागून एक पटी मंदर्तीं वचून येन्नां" म्हळें आनी ते मंदर्तीक गेले. थंय तांचे भशेन तांचे वेयय म्हातारेच आशिल्ले. दोगूय खांब्याक तेंकून बसताले आनी उलयताले. तांचो वेळ बरो वतालो. शिवाय नातवाक मांडयेर बसोवन घेवन ताजी अपुरबाय करप म्हळयार ऐताळांक खूब बरें दिसतालें. आपणागेर बापूय आयला म्हळ्ळे खोशेन सुब्बीक कसलेंय काम करपाक फुलाभशेन ल्हव दिसतालें. अशे तरेन न्हैन्याक चार दीस तरी मंदर्तीक वचून रावपाची ऐताळांक संवय जाली. थंयसून येवचें वेळार एकेक पटी ते नातवाकय घेवन येताले.

"म्हजें आनी कितें उरलां? आतां थंयच्यान आपोवणें आयल्यार वचपाक तयार" म्हूण ऐताळ केन्नाकेन्नाय म्हणपाक लागले. तरी तांच्या मनांत आशिल्ली एक चिंता ना जाली ना. आपणाल्या आवारांत शीनमय्यालें नळया घर आयलें तेन्ना साकून तांकां ती चिंता लागिल्ली. भोंवतणच्या गांवांतल्या जाय त्या जाणांनी बेंगळूरा वचून पैसो मेळोवन आपाआपणाल्या घरांक नळे चडोवपाचें आतां दिसानदीस वाडत चलिल्लें. कोडीसाकून मण्णूरा मेरेन हिशेब केल्यार सात-आठ घरां तरी तसलीं पळोवपाक मेळटालीं. सुब्राय उपाध्यायाल्या घराकय नळे घालून जाल्ले. त्या नळयाचीच चिंता ऐताळांक लागिल्ली. गांवचो विचार येता त्या वेळार नळया घरांचो विचार येतालोच. सरसोती "अण्णाक एक नळया घराचो ध्यास लागला. घराक नळे घालना जाल्यार मरण येवचें ना काय?" म्हणटाली. भावाक वय जायत आयलां. ताणें इत्सा दवरून मरचें न्हय म्हूण "अण्णा, म्हजी आडखळ आसा म्हूण समजूं नाका. घराक नळे घालता जाल्यार घाल. पूण म्हाका दिसता तें एकच - फाल्यां ह्या घरांत रावतलो कोण? लच्चा येवन हांगा रावतलो?" म्हळें. "लच्चा रावचो ना हें म्हाकाय खबर आसा. पूण म्हाका तरी घर पळोवन जीव सोडपाक जाता न्हय? म्हज्या फाटल्यान चार दीस तरी कोणेंय हें राम ऐताळालें घर म्हूण म्हळयार पुरो" म्हळें. भावाली ही इत्सा केदी खर आसा म्हळ्ळी सरसोतीक खात्री जाली. तिणें आपूण जावनच "ताजे खातीर कितें कितें लागता?" म्हूण विचारपाक सुरवात केली. पणसा झाडार कुराड घालपाक बुद्द दिवपी हनुमाचारी सोडून आनी कोणूय मेस्त मदेरा कामाक हरकत ना म्हूण थारायलें. "हो पावस सोंपतलो. त्या उपरांत बऱ्यो चिऱ्याच्यो बणटी घाल आनी घर बांद. बांदतलोच जाल्यार बाबत घर नाका, माळयेचें मजबूत घर बांद" म्हूण सरसोतीन म्हळें. एकेक पटी ऐताळांक तिगेल्या उलोवण्याचो दुबाव मारतालो "तुका मनांत ना जाल्यार सांग; म्हजीं फकाणां करनाका" म्हणटाले. तिजेंय मन कळवळटालें "मस्करी न्हय अण्णा, म्हाका वेगळोच विचार येता. तुजे फाटल्यान हें सगळें कोणाक काय म्हूण. पूण विचार केल्यार, तुवें राखून दवरिल्ल्या पयश्यांतलो एकूय पानदुडू लच्चा दवरपाचो ना अशेंय दिसता. देकून थोडो पयसो घराचेर

खर्च करचो. उरिल्लो शेताचेर जावं, सुनेक दागिने करपाक जावं, खर्च केल्यार जालो. तुका मनांत आसल्यार सुब्बीकय एक दागिनो करून दी. तिवूय तुगेल्या पोटांत जाल्ली न्हय?" म्हळें. चलयेक दागिनो करपाचो विचार सत्यभामेकय योग्य दिसलो.

हें सगळें योग्य अशें ऐताळांकय दिसले बगर रावलें ना. ते नव्या घराच्या कामाक रोखडेच लागले. तशेंच भयणीले सांगणे प्रमाण भाटां-भेसाय सोदपाक लागले. चड पयसो तसोच दवरल्यार तीनच दिसांत लच्चा ताजी वाट लायतलो म्हूण तांकांय दिसतालें. तांणी धुवेक आनी सुनेक पाचं-पांचशीं रुपयाचे दागिने केले. हे वटेन मद्राससाकून लच्चाली म्हयन्या-म्हयन्याक चाळीस-पन्नास रुपयांची मागणी येताली. कुंदापुरा वचून एका नात्यांतल्या वकिलाक मेळून, मद्रासांत म्हयन्याक कितलो खर्च येता हाजी ते चौकशी करून आयले. शिवाय आदले भशेन मांवाकडसून तो पैशे व्हरता काय म्हळो दुबावय तांकां येतालो.

दोन तीन म्हयने मेरेन लच्चण्णा पयशांखातीर बापायक एकतरी चीट बरयतालो. पयशे येवपाक वेळ जाल्यार एकदोन चड चिट्ट्योय बरयतालो. आपणाक बरोवपाक कळना जाल्ल्यान एका इश्टाकडसून एक कागद बरोवन घेवन ऐताळान मंगळूरा धाडले. पूण थंयसून कसलीच जाप आयली ना. दुसरे फावटीं बरयलें तरी वकिलाकडसून चीट आयली ना. तांकां खूब वायट दिसलें. "जावं, हांवें जितलो दंड भरपाक जाय तितलो ताका भरतां; तागेल्या नशिबांत आसा तें जातलें" म्हूण ताका पयशे धाडून दिवपाक लागले. हेवटेन तांचें मन सगळें घर बांदचे कडेन लागले. ऐताळांक उसंत मेळना जाली. घरा नमुनो दर खेपेक बदलपाक लागलो. माळी आसची काय नाका म्हळ्ळोय विचार येतालो. जसो विचार सुचता तशें काम चलत आशिल्लें. "ऐताळ घर बांदपाक लागले? कोणाक रावपाक खंय? हो म्हातारो खोको जाला. चलो तर हाता लागपी कूळ न्हय" म्हूण शीनमय्या फकाणां मारपाक लागलो. "शीनमय्यालें तसलेंच तें; तुवें ते कित्याक मात्याक लावन घेवपाक जाय?" म्हूण ऐताळांचें वयलेवयर भयण समाधान करताली.

घराक नळे चडच्या वेळार संसारपाडवोच आयलो. आता वणटींक रंग लावन चैत्रांत घराची वास्तू शांती दबाज्यान करपाक जाय, वकीलांकय आपोवपाक जाय म्हूण ऐताळान येवजिलें. मे रजा पडली आनी लच्चाय मद्राससाकून आयलो. "कितें? तूं एकटोच आयलो! नागवेणीक आपोवन हाडचें न्हय? फाल्यां वास्तू शांतीक तिणें आसचें नाका? वकील गांवांत केन्ना येवपाचे आसात? तुगेलो मेवणो कसो आसा?" म्हूण ऐताळांनी ताका विचारल्यार ताणें समाधानकारक जाप दिली ना. "हें पळय सरसोती, लच्चा एकटोच आयिल्लो पळोवन दुबाव मारता" म्हूण ऐताळान म्हळें. "तिका दीस भरल्यात आसतले" म्हूण सरसोतीन म्हळें. सरसोतीन वेळ सादून लच्चा कडच्यान खरे कितें तें काडपाचो नाना तरेन यल केलो, तरी उपयोग जालो ना. आदले रजेंत जितलो तो उत्साहान आशिल्लो, तितलोच बेजार आतां ताज्या तोंडार दिसतालो. एक दीस ऐताळान ताजे कडेन "कितें लच्चा, हें घर आमकां पुरो जावपाचें ना?" म्हळें. रोखडीच जाप आयली "हांगा फाल्यां रावतलो कोण म्हूण जाय न्हय?" इतल्यारच रावनासतना सरसोतीकडेन "हांवें एक धा रुपय चड मागल्यार धाडपाक जायना. हांगा असो राशींनी पयसो घरार कित्याक ओतपाक जाय? हें शार काय कितें? गरजेक म्हूण भाड्याक दिल्यार एक पानदुडूय भाडें मेळपाचें ना" म्हूण बापायची टीकाय केली. तो फकत आपणालोच विचार

करतालो; दुसऱ्यांचें ताका कांयच नाशिल्लें.

सरसोतीन घराविशींची खबर आयकलीना शें दाखोवन दुसरो विशय काडलो. "कित्याक? वकील तुका कांयच पैसे धाडनाशिल्ले?" म्हूण विचारलें.

"तांकां तांचीं भुरगीं आसात. म्हाका ते कितले म्हूण पैशे धाडटले?" लच्चान म्हळें.

"जावं, फुडल्या वर्सा तुका कांयच अडचण जावची न्हय म्हूण हांव पळयतां" अशें तिणें म्हळें.

घरांत वास्तुशांती करपाची तयारी जाली. वकिलांक येवपाकच जाय म्हूण कागद धाडलें. ताकाय जाप मेळ्ळी ना. हें पळोवन ऐताळांनी "लच्चा, तिका दीस भरल्यात काय कितें? तशें आसल्यार तें तरी कळोवपाचें न्हय?" म्हळें. निमाणे दुसरी वाट ना जावन "लच्चा, तूंच वचून तिका आपोवन घेवन यो" म्हळें. "म्हज्यान जायना, हांवें येवच्या वेळार म्हज्या वांगडा धाडून दियात म्हूण हांवें सागलें शा तर?" लच्चान म्हळें. आपोवनय नागवेणीक धाडून दिलें ना म्हूण ऐताळांक भिरांत दिसली. मांवाकडेन जांवय झगडलो काय? तशें आसलें तरी लच्चाले बायलेक ताज्या वांगडा धाडपाक कितें जाल्लें? कुळारा जाय ते दीस ती रावली न्हय? पोरय बरें, मांवागेरच्योय तिका आदार आसा. अशा वेळार जालें कितें जायत तें तांकां सुचना जालें. तशेच ते नीट ऐरोडीक गेले. नारायणय्यागेर वचून आपणालो घुसमटमार सांगलो. नारायणय्यान चड उलयनासतना "ऐताळांनूं, तुमी तुमगेल्या चल्याक दुसरें लग्न करपाक हरकत ना. अण्णाक जांवयावेलें मनच उडलां" म्हळें.

तेन्ना ऐताळाल्या काळजांत धस्स् जालें "म्हगेल्या पुतान कसलो गुन्यांव केलो काय? आतां मेरेन एकय उतर कळयनासतना आज एकदम असलो निर्णय कळोवपांत अर्थ कितें आसा?" म्हळें. तांगेल्या शिणिल्ल्या दोळ्यांत दुःख परगटलें. "नारायणय्या, म्हगेली चूक आसल्यार सांगात; लच्चा चुकल्यार सांगात; ताका वाटेर हाडटां" म्हळें. नारायणमय्याक दुसरो उपाय ना जावन आपणागेरची एक गजाल तांकां सांगचीच पडली. "तुमगेली सून हांगसून वचपा वेळार गुरवार आशिल्ली अशें दिसतालें. सगळयांक ताका लागून खीस जाल्ली. पूण मंगळूरा पावतकच एक दोन म्हयन्यांतच तिका नाका ती पीडा जावपाक लागली. ताका लागून आंगार गेलें. तरी जिवाक बरें दिसना जाले. निमाणें डॉक्टराक दाखोवचें पडलें. तुमगेल्या पुतान हाडिल्ले पिडेक लागून त्या बाबड्या पोरान जीणभर वळवळे सोंसपाक जाय खंय" म्हळें. ऐताळांनी मातें सकल घालें. तांणी सपनांतय येवजिलें नाशिल्लें तसलें जोगूल आपंटल्ले भशेन जाल्लें.

"नागवेणीक घोवच ना अशें समजता म्हूण अण्णा म्हणटा" नारायणमय्यान निमाणें सांगलें.

मुखार उलोवपांत अर्थ नाशिल्लो. "घात केलो रे पुता! हांवें मरचे पयली आनी कितें पळोवपाचें आसा काय!" म्हणत ऐताळ घरा परतले. घरा लच्चाय आशिल्लो. आंगार भार आयिल्ले भशेन सगळयां मुखार ते ताका मारपाक गेले. "तूं पाड पडल्यारय जाताशिल्लो. पाप, ते चलयेची जीण तुवें मातयेभरवण केली!" म्हूण संवले. लच्चा सामकोच रागार जावन शीनमय्यागेर गेलो. शीनमय्यान "लच्चा, तूं भिवंनाका तुगेल्या बापायक पळयल्यार म्हाका जायना खरें; पूण तुजेविशीं तशें ना. तुका शिक्षण करपाक

बापायन दुडू दिलें नात जाल्यार हांव दितां. शिक्षण जातकच म्हाका परते केल्यार जालें'' म्हूण बापाय-पुताल्या झगड्यांत मदीं उजो घालो. सरसोतीन लच्चाक शीनमय्यागेरच्यान हाडपाक धा-धा पटीं यत्न केलो. सत्यभामेन दीस भर दुकां गळयलीं. पूण लच्चा थंयसून हाल्लो ना. तागेली एकच जाप आशिल्ली. ''कोणा-कोणालीं अन्यायाचीं उतरां आयकून म्हगेली मर्याद काडली'' म्हळी. पूण तागेले फटेक आनी फसोवणेक आतांय सरसोतीन भुलपाचें साध्य नाशिल्लें.

पूत नासतनाच घराची वास्तुशांती जाली. हाका लागून शीनमय्याक राम ऐताळाली फकाणां करपाक खूब बरें जाल्लें. वांगडा लच्चाली फाटली करणीय कळिल्ली जाल्यार ताका कितलें बरें दिसतालें कोण जाणा! बापायकडसून जाल्लो अपमान ना करपाक बापायल्या दुस्मानाकडेन आसरो घेवन लच्चा मजेंत रावलो. वर्सभर लागता तो पयसो शीनमय्या कडेन घेवन कागदार बरोवन दिवन जून म्हयन्यांत तो मद्रासा गेलो.

हांगा नागवेणीले जिणेक गिराण लागिल्ले भशेन जाल्लें. फाटले रजेंत घोवा वांगडा मजेंत दीस काडून ताणें मद्रासा वचपावेळार ''डिसेंबर रजेंत घरा येनासतना रावं नाकात'' म्हूण हांसत तिणें सांगिल्लें. उपरांत एक दोनच कागदां तिणें ताका बरयिल्लीं. एकांत ''म्हाका न्हय नसती पिडा लागल्या; त्रासान वळवळचें पडटा'' म्हूण आशिल्लें. दुसऱ्यांत ''आवय जावपाचो योग ना जावन, म्हाका पिडेन भरिल्लें सुणें जावचें पडलां'' म्हूण बरयिल्लें. मुखार वैजालो निर्णय कळ्ळो आनी ती चडच चिंतेस्त जाल्ली. धुवे खातीर वकिलांक जाल्लो मनस्ताप सांगून सोंपचो न्हय. तांणी भिरांतेन आपणाले धुवेक जांवया कडसून पयस दवरलें. पूण जांवयाक मात चार म्हयने मेरेन पयशे धाडून दिले. निमाणें लच्चानच ''तुमचो उपकार म्हाका नाका'' म्हूण रागान चीट बरयली. घरसून खबर कळून सदाशिवान ताका बरोच संविल्ल्यान सगळयांकडेन लच्चाली दुस्मानकाय वाडली. निमाणें तर नागवेणीन ताका ''म्हगेले जिणेचो नाश करपाक आयिल्लो प्राणी'' म्हूण म्हणची पाळी आयली.

आतां स म्हयन्यां उपरांत नागवेणी बरी आशिल्ली. तरी पूण तोंडार तरतरीतपणा आयली ना. ती दीस भर विचारांतच उरताली. ''भोगपाचें ते सगळें सोसलें. ताका सोडून म्हाका दुसरी गत खंय आसा? बापायक दादले भुरगे आसात. हाव हांगाच उरल्यार फाल्यां तांकां हांव जड जाले शिवाय कशें रावन?'' म्हूण तिका विचार येताले. घोवाक पत्र बरोवन सगळ्यांचे वतीन चूक मागची म्हूण विचारय ती करताली. तितल्यांत ऐरोडीसाकून तिगेल्या बापायक चीट आयली. फाटल्या रजे दिसांनी ऐताळ आपणागेर आयिल्ले, तांचे कडसून पूत आतां झगडून वेगळो जाला म्हळो आनी हेर सगळो विचार त्या पत्रांत नारायणमय्यान बरयिल्लो. ''हो भुरगो आतां हाता भायर गेलो म्हळें खरें'' म्हूण वासुदेवय्यान म्हळें. तांगेली बायलय घोवाल्या विचाराकडेन सहमत जाली. त्या वेळार नागवेणी मात मळबाकडेन नदर लावन बशिल्ली.

लच्चालें कितें सांगप? तो रीण काडिल्ल्या पयश्यांनी मद्रासात मजेन रावपाक लागलो. शिवाय केन्ना केन्नाय बापायक दुसण दिवन पत्र बरोवपाकय ताणें फाटींफुडें पळयलें ना. म्हातारपणांत हें सगळें ऐताळांक सोंसना जालें. तांणी एक दीस वकील वासुदेवय्या हांकां कागद बरोवन धाडलें. ''म्हज्या वायट नशिबाक लागून तुमची धूव रस्त्यार पडची पाळी

आयली. ताका एकट्याक वाटेर हाडपाक तुमकां साध्य जालें ना? जावं, देवाली इत्सा आसा तशी जातली. तरी पूण एक विशय बरयतां. तुमची हरकत नासत तर म्हगेले सुनेक कसलीच अडचण जावपाक दिनासतना म्हज्या घरांत हांव सांबाळटां. म्हगेले इश्टेटिंतलो चड वांटो हांवेंच जोडिल्लो'' म्हूण तांणी बरयिल्लें. ''पुतालें तोंडे पळोवची आशा कांय ना; सुनेचें तोंड तरी पळोवपाचो योग म्हाका दियात'' म्हूणय कळवळयान बरयिल्लें.

डिसेंबरांत क्रिसमस रजेंत गांवांत आयिल्ल्या वेळार वकील धुवेकय घेवन आयले. आयिल्ल्या दुसऱ्याच दिसा आपूण जावन ते तिका ऐताळागेर घेवन गेले. कळवळो भरिल्ल्या मनान भीत भीत ऐताळान तांकां येवकार दिलो आनी ''पळयात, हें घर, ही माळी, हे दार, ही चौकी, सगळें कोणाखातीर केल्लें? म्हजो अवतार तर सोंपलो'' म्हळें. तांचे कुशीक सत्यभामाय येवन राविल्ली. सुनेक पळोवन तिगेल्या दोळयांतल्यान दुकां गळ्ळीं. ''आयली गे, म्हजे धुवे!'' म्हूण तिणे नागवेणीक म्हळें. नागवेणी तिका पांया पडली. ''तुमगेले सुनेक हाडल्या. तुमी जाय जाल्यार दवरून घेयात, पूण तुमी तुमगेल्या पुताची चिंता करत रडपात अर्थ ना.'' म्हूण वकिलान म्हळें. ''तें खरें, जांच्या तांच्या नशिबांत बरयलां तशें जाता'' म्हूण ऐताळान जाप दिली. मुखार तांणी ''म्हगेले इश्टेटिंतलो चारांतलो तीन वांटो हांवें मेळयिल्लो. तो हांव सुनेल्या नांवान करतां. म्हगेल्या आज्यान म्हाका दवरिल्ले इश्टेटीक हांव हातच लायना. तें तो जाय जाल्यार खावूं, ना जाल्यार विकून उडोवं; ह्या नव्या घराचे नळेय काडून भायर जाल्यार मारूं'' म्हळें.

त्या दिसा वकील थंयच रावले. बापायन वचपाक भायर सरिल्ले पळोवन ''हांगा चार दीस रावतां'' म्हूण नागवेणीन म्हळें. ऐताळागेरच्यान भायर सरतना वकिलांचे दोळे भरून आयले.

आतां नागवेणीच ऐताळालो चलोभुरगो जाल्लें. शिकिल्ली आनी गिरेस्ताली चली आसूनय तिगेली नमळाय इतली आनी तितली न्हय. सरसोती आनी सत्यभामा तिका घटके घटकेक समाधान करताली. ''ब्रह्मान बरयिल्लें बरप कोणाच्यान पुसपाक जाता? म्हजें पळय न्हय?'' म्हूण सरसोती म्हणटाली. ''सगळया दुखेस्ता भशेन आपुणय एक'' म्हूण नागवेणीकय दिसपाक लागलें.

ऐताळांचो निमणो प्रवास म्हळयार मकर संक्रांती उपरांत सालिग्रामांत जाल्ली जात्रा. आपणाल्या नरसिंव कुलदेवाकडेन घरांतलीं सगळीं गेल्लीं. थंय ''देवा! आमगेल्या लच्चाक मात तरी बरी बुद्द दिल्यार जायना!'' म्हूण देवाकडेन ऐताळान कळवळयान मागणी केल्ली. थंयसून आयल्या उपरांत ऐताळ जोर येवन न्हिदले. म्हयनो गेलो; दोन म्हयने जाले. नांवाक आयिल्लो जोर; पूण ताणें तांकां सामकोच हालयलो. एप्रील आयलो. लच्चा बी. ए सोंपोवन गांवा आयलो. बापूय हांतुळणार पडला म्हूण कळूनय घरा वचनासतना शीनमय्यागेर रावलो. ''ताका आपोवन हाडटां'' म्हूण सरसोतीन म्हळें. ''म्हाका ताजेर नदर घालपाची ना'' म्हूण ऐताळान म्हळें. पूण ''दुसऱ्या कोणागेरय तो राविल्लो जाल्यार, मरच्या वेळार ताका एक बुद्दीचे उतर तरी सांगतलों आशिल्लों'' अशें तांकां मनांत दिसतालें. शीनमय्यागेर रावपी पुताक तें सांगपय नाका अशें तांकां दिसलें.

चैत्रांतली उमास आयली. ऐताळाल्या घरांत काळखी भरिल्ली. त्या दिसा सकाळीं

सरसोती, सत्यभामा आनी नागवेणी पाळयेन समुद्रार न्हावन आयलीं. नागवेणीक मांवाली सेवा करप म्हळयार धन्यताय दिसताली. ते हालीं ल्हान भुरग्या भशेन जाल्ले. त्या उमाशे दिसा तर तांचें आंग जोरान भाजतालें. केन्ना केन्नाय आंगार सुद्द नासताली. तें पळोवन दोळयांदुकां गळयत नागवेणीन "मामा, हांव वचून तांकां आपोवन हाडूं?" म्हळें. सुनेल्या दोळयांतल्या दुकांनी म्हातान्याचें मन करगलें. "तुवें आपयल्यार तो येत? तुजे परस व्होड तागेलो शीनमय्या आसा न्हय, थंय?" म्हळें. नागवेणी ओगी रावली.

तेवटेन उमाशेक न्हावपाक आयिल्ले कडेन "राम ऐताळ चड शीक आसात" म्हूण खबर पावली. समुद्रांत न्हावपाक आयिल्ले जाय ते जाण हांगा येवन तांकां पळोवन गेले. "आयचो दीस वचत असो दिसना! आज वांचल्यार चार वर्सां जगपाक हरकत ना" म्हूण सुब्राय उपाध्यायान म्हळें. शीनमय्याकय ही खबर पावली. तांचें मन हाल्लें "तो कितलोय वायट जालो तरी मरणा वेळार ताका पळयनासतना रावचें न्हय" म्हूण ते समुद्रावेल्यान घरा पाविल्ले तशेच परतून मान सकल घालून ऐताळागेर पावले. गुंगींतल्यान सुद्द आयिल्ल्या वेळार ऐताळान दोळे उगडून पळयल्यार मुखार शीनमय्या उबे आशिल्ले. "कोण? शीना!" तांणी म्हळें. "हय, ऐताळानूं" म्हूण जाप आयली. "हांव मेल्या उपरांत तरी दुस्मानकाय सोडून म्हज्या पुताक चार शाणेपणाचीं उतरां सांगशी?" ऐताळान विचारलें. शीनमय्या भुरग्या भशेन जाले. तांणी ऐताळांचे पांय धरले. "हांवें कितेंय म्हळळें आसलें तरी म्हाका भोगशियात" म्हूण दोळयांत उदाक काडले. ते आदीं ते कशेंय आसले तरी ऐताळाल्या मरणा मुखार ते प्रामाणिक जाल्ले. जाय ते दीस मेरेन दुस्वास ओंकत आशिल्लीं तीं दोन तोंडां त्या दिसा एकमेकांक आपलेपणान पळोवपाक लागलीं.

नागवेणीन धांवत वचून ही गजाल सरसोतीक सांगली. सरसोती तिका घेवन शीनमय्याल्या घरा सामखार वचून उबी रावली. नागवेणी एकटीच घरांत भितर गेली. मुखाल्ल्या दारार लच्चा बशिल्लो. 'ही हांगा कशी पावली?' अशें ताका दिसलें. तिगेले ओले जाल्ले पोले पळोवन "कितें?" म्हूण विचारलें. "तांणी मरचे पयली येवन तांचेर नदरय घाल्यार जायना?" म्हूण तिणें म्हळें. लच्चा तिजे मागशीं येवपाक लागलो. सगळीं घरा पावलीं. लच्चाक देणप्या भितर वचपाचें धैर्य जालें ना. नागवेणीन मांवा कडेन वचून "ते आयल्यात तांणी भितर आयल्यार जायत? तुमी रागार जावचे न्हय" म्हळें. "धुवे, तुका पळोवन... तुजे सारके भाग्यलक्षुमे मुखार म्हजो राग!" ऐताळान म्हळें. नागवेणी हुंदकेत देणप्याकडेन आयली. घोवालो हात धरून ताका तांचे सामखार हाडलें. लच्चा अस्वस्थ जालो. शीनमय्याक पळोवन ताजें तोंड धवें फटफटीत जालें. मय्यान "लच्चण्णा, तांगेले पांय धर. तांचे कडेन आमकां दुस्मानपण नाका आशिल्लें; आतां पुरो. देव आमकां बरो करचो ना" म्हळें. थंयच धप्प करून लच्चान आपणाक उमथें घालून घेतलें

ते रातीं ऐताळ अर्द सुद्दीर, अर्द गुंगेंत अशे आशिल्ले. ग्रहदान, गोदान, भूदान हें सगळे तें सुद्दीर आसतनाच केलें. ऐताळान "तुका बुदवंतकाय सांगपाचें त्राण म्हज्यांत ना. हात धरिल्लेक मयदिन सांबाळ. तुजे विशीं म्हाका धड भरवंसो ना जाल्ल्यान सगळी इश्टेट तिगेल्या नांवान केल्या" म्हळें. लच्चण्णा हें सगळें मोन्यावरी आयकत रावलो.

उमास पूर्ण जावचे पयलींच ऐताळांचो अवतार सोंपलो. पारोतील्या मरणान अर्द

जाल्ली सरसोती सामकीच गळसली. सोयऱ्यांक ही खबर सांगपाक लोक गेले. सुब्बीय धांवत आयली. आतां मुखाल्लें कार्य जावपाक जाय आशिल्लें. शिनमय्यानच त्या दिसा मड्याक खांदो दिल्लो पळोवन तांगेल्या व्हड दुस्मानांचें मनय शांत जालें आसतलें. त्या दीसा दोळयांत एकूय थेंब उदाक काडनाशिल्ली म्हळयार सरसोती. तिगेल्या दोळयांचें उदाक आटिल्लें; उतरां आदींच सोंपिल्लीं. त्या दिसासाकून तिणें जायते दीस, उलोवचें न्हय म्हळळे भशेन, ओंठ चाबूनच भोंवपाक सुरवात केली. घरांत आवयन, भयणीन आनी बायलेन बोबो मारिल्ल्यो आयकून लच्चाकय "हो संवसार म्हळयार एक नरक. हांगा एका सुखा वांगडा धा दुःखां आसतात" म्हळळो वेदांत येवजलो. पूण म्हणटात तशें तें फकत स्मशान वैराग्य आशिल्लें. बापायलो बारावो सोंपल्या उपरांत घरा आयिल्ली भयण आनी सोयरे परत गेले. ताका मरणाचें कांयच दिसना जालें. आतां घरांत अवकळा दिसताली खरी, पूण थंयसून शीनमय्यागेर वचप ताका बरें दिसलें ना. आपणामदीं आनी बापायमदीं दुस्मानकाय वाडोवपाक कारण जाल्ल्या मनशानच आपणाक बाप्पाय मुखार मातें सकल घालपाक लायलें अशें ताका दिसलें. हांगा घरांत तरी समाधान आसा? नागवेणीकडेन पयले भशेन उलोवपाची उमेद ना. कोणातरी सोयऱ्याक वागयिल्ले भशेन ती ताका वागयताली. तिगेल्या बापायकडेन आयिल्लें वांकडेपण तिजे कडेनय आयलां अशें ताका दिसतालें. नागवेणी आपणालो फुडार नकळ जाल्लें पोर. ती उलयताली; पूण दुसऱ्याच खिणाक "म्हजे चड सलगेक लागून पर·ून हांवें नरकयातना भोगची पडटली!" म्हूण ओगी रावताली. सरसोती आनी सत्यभामेक तिगेलें बाविल्लें तोंड पळोवन लच्चाली पाड करणी येवजताली आनी तांचें मन कळवळटालें.

आपणालें सुख भायर मेळोवपाक लच्चा शिकिल्लो. रजे वेळार किट्टु उपाध्याय गांवांत आयिल्लो तो जाणा आशिल्लो. जलजालो सहवास मेळोवपाचो तो आतां यत्न करपाक लागलो.

बि. ए. चो निर्णय आयलो. आपूण पास जालों म्हूण ताका खोस जाली. "मुखार कितें करप?" म्हळळो एक व्हड प्रस्न आशिल्लो. गांवांत ह्या नरकांत रावप ताका साध्यच नाशिल्लें. मुखार शिकप? काय नोकरी मेळोवप? ताका वाटच दिसनाशिल्ली. निमाणें एका निर्णयार येवन, "आमा, तुमी सगळीं हांगा घरांत रावात. बापायन 'वील' करून तुमकां जाय तशें केलां. म्हाका ह्या घरांत मर्याद दवरली ना. नागवेणीकडेन भीक मागून हांव हांगा पडून रावचो नां. शिवाय हांवें बि. ए. पास जाल्ल्याचो उपयोग कितें? हांगा रावन हांवें करचें कांय ना. खंय तरी वचून एक नोकरी तरी सोदतां" म्हळें. घराचें मुखार कितें जातलें तें सरसोतीक सुचना जालें. तिणें नागवेणीक आपोवन "तूं कितें करता?" म्हूण विचारलें. "ताका कितें कम्मी आसा? तेवटेन बापूय आसा; दुडवांकार वकील. हेवटेन हांगा खावपाक जाय तितलें आसा" लच्चान कुसडेपणाचीं उतरां मारलीं आनी शीनमय्याकडेन रीण मागपाक गेलो. शीनमय्यान "तुका रीण कित्याक? तूं तर आतां घराचो मालक न्हय?" म्हूण प्रस्न केलो. बापायन मरच्या वेळार केल्ले वेवस्थेची खबर ताणें तांकां सांगली. "पित्रार्जित बदीक तितले कांय करपाक जायनासतना दवरला. ते नाशिल्ले जाल्यार हांवें भिकेक वचचें पडता आशिल्लें. आतां म्हज्या नांवान आसा ती बदीक म्हळयार आज्यान दवरिल्ले तितलेंच" म्हळें. शीनमय्याक लच्चान

बायलेकडसून पैस वचपाचो विचार बरो दिसलो ना. पूण लच्चालें एकच सांगणें आशिल्लें- "तुमकां जाता जाल्यार म्हज्या वांट्याक आशिल्ले बदीकाचेर थोडें रीण दियात. खंयतरी नोकरी मेळ मेरेन दीस काडपाक जाय न्हय? तिज्या हंगात हांव रावचो ना" अशें सांगून तो गेलो. ऐताळांच्या कोडींतल्या घरांत कोणूच दादलो मनीस ना म्हूण ऐरोडीचे नारायणमय्या वयले वयर थंय येवन वताले.

"तुमी कितें करतलीं? नागवेणीन मुखार कितें करप? तिणें आमगेर येवन रावपाक कांयच हरकत ना" म्हूण तांणी म्हळें

सरसोतीन "जावपाचें कांय ना; जावपाक जाय अशेंय कांय ना. म्हजे चार दीस उरल्यात. हांव हांगाच जल्माक आयली; हांगाच मरतली" म्हळें. सत्यभामेक आपणें भावाकडेन वचचें अशें दिसलें. पूण दुसऱ्याच खिणाक नाका अशें दिसलें. "नागवेणी बापायगेर तरी आसूं; थंय सुखान वाडिल्ली. घोवाक लागून वळवळिल्ली पुरो ना म्हूण तिणें ह्या एकांत वासांत तळटळचे नाका" म्हळें.

नारायणमय्यान नागवेणीक आपणागेर व्हरचें म्हूण केलें. पूण नागवेणी तयार जायना जाली. सरसोतीलो मायेचो सभाव कांय दिसांतच अणभविल्ले नागवेणीक आपणें तिका अशे वेळार एकटेंकच सोडून वचप बरें न्हय अशें दिसलें. मांवाल्या घरात सरसोतीचें हें आगळें अस्तित्व आशिल्ल्यान त्या घराविशीं नागवेणीक ओड आशिल्ली.

नारायणमय्या निराशेन परतले. आपणालो भाचो सांगनासतना खंय तरी गेला म्हूण कळून पडमुन्नूर मादप्पय्यालो चलो जनार्धन भयणीक आपोवपाक आयलो. "ती आमगेर वर्स भर रावतली" म्हूण सत्यभामेक आपोवन घेवन गेलो. सरसोतीन नागवेणीक "पुता, तूं म्हज्या भरवंश्यार हांगा कित्याक रावता?" म्हळें. नागवेणीन दोळया दुकां गळयत "मांवाले रीण पावोवपाक जालें तरी हांवें हांगा रावचें नाका? अजूनय, तांका बरी बुद्द येवन म्हाका आपोवन व्हेल्यार वतां. आपयल्यार आमकां दोगांकय आपोवन व्हरचें; ना जाल्यार तुमी आसा तो मेरेन हांव हांगाच रावतां" म्हळें.

नागवेणीची तन्नी पिराय. तिका अणभवाचीय जोड ना. मनान भावार्थी. तिगेल्या काळजांतल्यान भायर सरिल्ल्या उमाळयान ती तशीं उलयली. त्या वेळार सरसोतीच नागवेणीक 'आजी' जाल्ली. नागवेणी तिजी वाडिल्ली नात जाल्ली. सरसोती घरांतली मुखेल जावन, घरांतलो कोयर काडप, दिवे लावप हीं कामां करताली. नागवेणी रांदताली. आतां तांकां शेतकाम, तवंश्या पोरसूं, ह्या कसल्याचीच भानगड नाका जाल्ली. "कित्याक ती कटकट! खातात तें खावंदीत. देवान यो म्हूण सांग मेरेन ताजें नांव घेवन दीस काडया" अशें दोगांनीय थारायलें.

हें जाल्ल्या स म्हयन्यान नागवेणीक वकिलांचे कागद आयले. तिगेलो घोव बळ्ळारींत आसा, खंयची तरी सरकारी नोकरी करता, ह्या शिवाय ताजेविशी खंयचीय खबर तांकां कळ्ळी ना म्हूण बरयिल्लें. पूण हे खबरेंत कोणाकय उपकाराक पडपाचें अशें कांय नाशिल्लें.

नागवेणीन देवाकडेन आपणाले लक्ष व्हेलें. सरसोतीन उपदेश केल्लो "नमः शिवाय" मंत्र आनी जपामाळ हीं वेळ काडपाक तिका आधार जाल्लीं. चडच बेजार आयलो जाल्यार ऐरोडीक सानबाप्पागेर वचून येताली. मांवान केल्ले वेवस्थेक लागून मरमेरेन

घरांतले येणावळीविशींची काळजी नाशिल्ली. तसली अडचणच आयली जाल्यार नारायणमय्या येवन गेण वसूल करताले. मंगळूरसून वकील "ते पयशे हांगा दवर; हें पयशे थंय आसूं" म्हूण कळयताले. लच्चाल्या वांट्याक आयिल्ले जमनीची वैवाट शीनमय्या पळयताले. तें उत्पन्न हांच्या हातांत पडनाशिल्लें.

* * * *

लच्चान घर सोडून आतां तीन वर्सां सोंपलीं. मदेगात ताणें गांवाक भेट दिल्ली. तेन्नाय तो घरा येनासतना शीनमय्यागेर वचून राविल्लो. एक दीस सकाळीं घराक ताणें दर्शन दिल्लें. घरांत कळा नाशिल्ली. घरांतलेंय कळाहीन दिसतालें. नागवेणी तळयार न्हावन घरांत येताली. तिका पैसल्यान आपणागेर कोण तरी येता अशें दिसलें. सपसपी आंगणांत गेली. आयिल्ल्या मनशाली वळख रोखडीच मेळ्ळी ना. तोंडावेल्यो मिश्यो बऱ्यो वाडिल्ल्यो. न्हेसपाची तरा भायले पद्दतीची आशिल्ली. लच्चा आपणाल्या नव्या रंगांतच आयिल्लो. "कितें? वळख मेळना न्हय?" म्हळें. नागवेणीन मान वयर केली. आवाजाची वळख मेळनासतना रावता? सुख-दुःखान भरिल्लो मातसो हांसो तोंडार फुल्लो "अशें तरेन कित्याक उलोवप?" म्हूण तिणें म्हळें. दुसऱ्या खिणाक तिका रडपाक आयलें. लच्चा घरांत चौकेर बसलो. सरसोती धांवतच आयली. "पुता, आयलो? केन्ना आयलो? खंय आशिल्लो?" म्हूण प्रस्नार प्रस्न विचारलें. 'केन्ना' म्हूण सांगपाक ताका लज जाली. "पुता, आंगार घेवन खेळयिल्ल्यांक विसरल्यार जायत, पूण अग्नी साक्षीक दवरून हात धरिल्लेक अशें सतावप?" म्हूण विचारलें. बापायन मरच्या वेळार त्या सगळ्यां मुखार सागिल्लें उतर लच्चाक येवंजलें आनी तो ओगी रावलो. रातच्या वेळार सुक्र उदेतना जाता तशें त्या दिसा लच्चा आयिल्ल्यान घरांत मात तरी कळा मारली.

वयांत आयिल्ल्यान तन्नेपणाची कांत फांकपी नागवेणीली सोबीतकाय पळोवन लच्चाले दोळे लिकलिकले. ही सोबीतकायेची खाण सोडून आपूण खंय गेलों म्हूण ताका आपणालें पिशेपण जाणवलें. जेवण खाणावेळार सोयऱ्या भशेन जरी तो घरा वावुरलो तरी दनपारचें जेवण जाल्या उपरांत "बळ्ळारी जिल्ह्यांत हांव शिरस्तेदार म्हूण कामाक आसां. गांव चड पैस. पूण काम खूब बरें आसा. म्हजें काम पळोवन फाल्यां तहशीलदार करतीतय. पगार थोडो जरी आसलो तरी हेर येणावळ खूब बरी आसा" अशें ताणें सांगलें.

रात आयली. जेवणखाणय जालें. भुरगेपणाचो हांसो आपणाल्या तोंडार खेळोवपाक नागवेणीन यत्न केलो. त्याच वेळार लच्चा घरांतल्यान वचपाक भायर सरलो. "खंय?" म्हूण विचारल्यार "शीनमय्यागेर. काल थंयच येवन उतरिल्लों. आतां थंय वचपाक जाय न्हय?" म्हळें. "कित्याक? हांगा रावल्यार जायना? हें तुमगेलेंच घर न्हय? हांव परकें?" म्हूण नागवेणीन विचारलें. निमणे उतर उलयतना तिगेली जीब थरथरताली. "तुका हांव जाय काय नाका... हेंच म्हाका कळना जालां" लच्चान म्हळें. "हात धरिल्लेक अशें केन्नाच सतावप न्हय!" नागवेणीन म्हळें.

नागवेणीलें जुवानपण ते रातीं परतून लच्चाल्या हाताक लागलें. देवाधर्माक आनी मायेक सांबळपी नागवेणीलो जीव हेर सगळें विसरून ताजे कुशीत गेलो. ताजे वेलो रागय ना जालो.

रजा सोंपमेरेन सगळ्यां वांगडा उमेदीन उलयत लद्या घरांत रावलो. घरातल्या पैश्या आडक्याचें कितें कितें केलां तें सगळें नागवेणीन ताका सांगलें.

एक दीस ते उमेदीचेर उदाकय पडलें. "म्हगेली रजा सोंपली. हांवें बळ्ळारी वचून परत कामाक लागपाक जाय" म्हळें. "हांगाच रावल्यार जायना?" सरसोतीन म्हळें. "वचचें आसल्यार वचूंत" नागवेणीन म्हळें. "पूण आमकां दोगांकय वांगडा घेवन गेल्यार जालें. हांगचे वसुलीचे काम सानबाप्पा पळयतलो" अशेंय म्हळें. लद्यान फाटलो फुडलो विचार केलो. "हांव थंय वचून बिराड पळयतां. उपरांत तुमकां घेवन वतां" म्हळें. "तशें जाल्यार जायत" म्हूण तिणें म्हळें. खंयच्याय कारणान लद्याक आनी नागवेणीक एकठांय हाडचें आनी आपणें मात हेच भुंयेंत एक जावपाखातीर दीस आनी घटका मेजत रावचें अशें सरसोतीन थारायलें.

○

17

बळ्ळारीसाकून शिरस्तेदार लक्ष्मीनारायणरायालीं पत्रां केन्नाकेन्नाय गांवांत येत आसताली. नागवेणीय तांकां पत्र बरयताली. अशे तरेन तांचे तुटिल्लें मन परतून एकठांय आयिल्ली खबर तिगेल्या बापायकच कळ्ळी नाशिल्ली. नागवेणी दर एका कागदांत "आमकां हांगा अशेंच कुसोवं नाकात. तुमगेल्या आत्याक चिंतेचो ताप सहन करपाक लावं नाकात" म्हूण बरयताली. "हांव सदां फिरतेरच उरतां. वयले वयर म्हका वर्ग जायत आसता" म्हूण ताजी जाप येताली. ताणें आपूण "आतां येतां; आनी थोड्या दिसांनी येतां" म्हूण बरोवच्या वेळारच "हांव आवय जावन तुमी बापूय जावपाचे आसात. आतां बिराड बी नाका" म्हूण हिणें बरयलें.

स म्हयन्यां भितर लक्ष्मीनारायणालें पत्र बळ्ळारीसाकून येनासतना केरळसाकून आयलें. "कांय इश्टांच्या आधारान म्हाका हांगा अबकारी खात्यांत इन्स्पेक्टराचें काम मेळ्ळां. रेविन्यू खात्या परस हें खूब बरें आसा. हांगा खूब उत्पन्नय आसा. शिवाय बेगीन एक दिसा आमगेल्या जिल्ह्यांत वर्ग जावपाचोय संभव आसा" म्हूण बरयिल्लें.

लक्ष्मीनारायण केरळांत आयिल्लो खरो; ताका थंय काम मेळिल्लेंय खरें. पूण ताका तितल्यारच समाधान नाशिल्लें. चड मेळोवपाची इत्सा आशिल्ली. तो आनीकय मुखाल्लोच विचार करतालो. पैशे मेळोवपाक ताणें घुशिल्ल्या खात्यांत तसो बरो वाव आशिल्लो. सगळे वटेन येवपी देणग्यो, लांच, हें कितेंय घेवपाक तो मुलाजो म्हूण दाखयनाशिल्लो. पूण तागेले येणावळींतले कितले शिल्लक उरतात तें मात सांगप कठीण आशिल्लें. आयिल्लें सगळें खर्च करून त्या परस चड थाटांत रावतालो. कामाक गेल्ले कडेन बुदवंतकायेन वागतालो. हाका लागून वेलो जागो मेळपाक वाव आशिल्लो. आयिल्ल्या चार दिसांतच बडती मेळना म्हळें जरी खरें आसलें तरी मुखार मेळटली म्हूण भरवंसो आशिल्लो.

पूण ताका आशिल्ल्या व्यसनान मात ताजें मन थीर दवरलें ना. सदां बायलां पिशें ताका सतायतालें. कितलेंय उत्पन्न आयलें तरी ताजो हात सदांच रिकामी उरतालो. एक पटी पयश्यांखातीर घरा बरोवया म्हूण ताणें विचार केल्लो. पूण "हांगा म्हाका उत्पन्न ना; आसा तें खर्चाक पावना," म्हूण बरोवचें? अशें बरयल्यार घरांत म्हजी किंमत परतून उणी जावपाची ना? म्हूण दिशिल्ल्यान ताणें बायलेक बरयिल्ल्या पत्रांत "घरचो पैसो तुवें कोणाकय उणे कळंतराक दिवप समा न्हय. हांगा चड कळंतर मेळटा. घरचें उत्पन्न आयलें तशें तांदूळ विकून दुडू हांगा धाडून दी" म्हूण शाणेपणान पत्र बरयलें.

ते पत्र पाविल्ल्या वेळार नागवेणी पुरो जावन आड पडिल्ली. तिगेल्या आंगांतय बरें नाशिल्लें. शिवाय ती स म्हयन्यांची गुरवार आशिल्ली. ह्या पत्रांतलो मजकूर पळोवन ती अस्वस्थ जाली. आयिल्लें धान्य नारायणमय्यान विकून ते पैशे तिज्या नांवान दुसऱ्यांक रीणय दिवन जाल्लें. आतां घोवाक जाप कितें धाडची? आसा तें बरोवचें काय

सानबाप्पाक विचारून ताणें सांगतां तशें बरोवचें म्हूण तिणें चिंतलें. सरसोतीन पत्रांत कितें आसा म्हूण विचारलें. "लच्चा घरा येवपाचो आसा? येता बी काय म्हूण बरयलां?" म्हळें. पत्रांत कितें आसा तें जेन्ना तिका कळळें तेन्ना "कांय नाका, हांगचो पयसो व्हरून थंय वाट लावपाक! मेळता ते पन्नास रुपए ताका पावनात तर?" म्हळें. नागवेणीक घोवाचेर भरवंसो दवरनासतना रावप बरें दिसलें ना. कितेंय तरी जाप धाडपाक जाय. "उरिल्ले पैशे रीण म्हूण दिवन जाले" म्हूण बरयलें जाल्यार 'तूंच यजमान्न; म्हाका विचारनासतना रीण दिवपाचें तुका येवजलें न्हय' म्हणटले. "कितें करपाचें?" म्हूण विचार करून कितेंच येव़जना जालें तशें तिणें सानबाप्पाक आपोवपाक धाडलें. तांणी 'हांगाच बरें कळंतर मेळटा म्हूण सानबाप्पान म्हज्या नांवान रीण दिलां; घर खर्चाक जाय तितले तांदूळ आतां आसा; पैसो कांयच हातांत ना' म्हूण बरोवपाक सांगलें.

तें पत्र पावचे पयलींच लच्चालें आनीक एक पत्र आयलें. "पांयशी रुपय रोखड्यारोखडे धाडून दी. चक्रवाड कळंतराक हांगा रीण घेवपी गिरायक आसा. आमगेल्या गांवांत शेंकड्याक स परस चड कळंतर दिवपी कोण आसा?" म्हूण बरयिल्लें.

ह्या पत्राची जाप आदल्या पत्रांतच आसा म्हूण नागवेणी ओगी रावली. त्या म्हयन्यांत पयश्यांखातीर वयलेवयर पत्रां येत रावलीं. निमणें एका कागदात "म्हाका बरें ना. वखदविरसद करपाक दोनशीं रुपय धाडून दी" म्हूण बरयिल्लें. सरसोतीक ताजेर कसलोच भरवंसो नाशिल्लो. पूण नागवेणी भियेली. सानबाप्पाकडेन वचून तिणें दोळया दुकां गळयलीं. तांणी "तूं जावन ताका वायट मार्गाक लावंनाका. हातांत पयसो ना जाल्यार घरा येवन रावंदी" म्हळें. तरी पूण लक्ष्मीनारायणाक पैसो पावलोच. तो सोंपल्या उपरांत परतून कागद आयले. पयश्यांचें कारण चडउणें पयले भशेनच आशिल्ले. त्या कागदाक नागवेणील्या सानबाप्पानच जाप धाडली. "तूं जाता तितलो बेगीन घरा यो. हांगा सावकासायेन वखदउपचार घेवपाक जातलो. शिवाय तुगेले बायलेकय दीस जाल्यात. सरसोतीमांय जाणटी जाल्या. तिज्यान कसलेंच काम जायना. तिका सोडून आनी घर सोडून नागवेणी खंयच वचना. अशें वेळार धरात एक दादलो मनीस तरी नाका?" म्हूण चार बुदवंतकायेचीं उतरां बरयली.

जायते दीस मेरेन ताजी जाप आयली ना. लक्ष्मीनारायणाक पिडा नाशिल्ली आनी कांयच जाल्लें नाशिल्लें. घरांतले पयशे हाडपाचेच ताका जाय जाल्ले. 'हें भिकारड्या नारायणमय्यालें भूत म्हाका आडयता! म्हगेल्या बापायलो पयसो खर्च करपाक म्हाका हाजी आडखळ?" म्हूण रागार जावन तो केरळांतच उरलो. नागवेणील्या त्रासा वेळार तिका एक दोन गोड उतरां बरोवपाक जाय म्हळळी बुद्दय ताका आयली ना.

हे वटेन नागवेणीक णव म्हयने भरले. सानबाप्पान आपणागेर यो म्हूण जाय तो आगरो केलो. पूण ती तयार जाली ना. "आत्या आसा थंय हांव" म्हूण हट्ट घेवन बसली. सरसोतीक पयलीच म्हातारपण, आपणा बरोबरचे सगळे सोंपले म्हळळी व्यथा वेगळी. "पुता, म्हजेर अवलंबून कितें जायत? सत्यभामा हांगा आसल्यार तरी कितेंय जातालें" म्हूण ती कळवळळी. मानायाक पडमुन्नूराक धाडलें. सत्यभामा रोखडीच घरा आयली. सुनेक पळोवन, 'हिका सोडून आपूण इतले दीस रावली तेंच चुकलें' म्हूण दिसून ती कळवळळी. सरसोतीक धैर्य आयलें. "नागवेणी, देवान सत्याक योग्य वेळार धाडलें" म्हूण तिणें म्हळें.

सत्यभामेन आपूण आयल्या उपरांत सुनेक कसलेंच घर काम करपाक दिलें ना. पुतालें कागद आयिल्ली गजाल तिका कळ्ळी. "तागेलें नांवच कांडू नाकात" तिणें म्हळें.

फाल्गुण म्हयनो आयलो. पुनवे दिसा सकाळफुडें नागवेणीक पिडेचो त्रास जावपाक लागलो. खबर कळ्ळी तशें ऐरोडीसाकून नारायणमय्याली बायल धांवत आयली. दीसभर नागवेणीन सोशिल्ले हाल सांगपाचे न्हय. पूण कसल्याय त्रासांक तोंड दिवपाची तिजी तयारी दिसताली. सरसोती तिजे कडसून हाल्ली ना. सत्यभामा रांदचे कूड आनी बाळांते व्हयरे मदीं धांवपळ करताली. नागवेणीले कळ सोंसपी कश्टेल्लें तोंड पळोवन तिगेली सानाम्मा तिका समाधान करताली. नागवेणीली गुरवाचारांत इत्सा पुरो जाली ना! पोटार कापड केलें ना! आतां कश्टा वेळार घोवय लागीं ना! म्हळ्ळो विचार तिका सतायतालो. नागवेणील्या मनांत आपणा मुखार आनीकय कसलें कसलें संकट उबे जायत काय म्हूण भिरांत दिसताली. फाटले खेपेक तीन म्हयन्यांची गुरवार जावन, उपरांत निराश जावपाची पाळी आयिल्ली ती हे घटकेक विसरत कशी! ती खबर सरसोतीय नकळ आशिल्ली. सानाम्मा जाणा आशिल्ली. नागवेणील्या तोंडावेल्यान तिका तीच चिंता, निराशा आनी व्यथा सतायता म्हूण कळ्टालें. "धुवे, तूं चिंता कित्याक करता? देव आसा. आदले भशेन जावचें ना. देव तुजो हात सोडचो ना" म्हूण तिणें म्हळें. सरसोतीक 'आदले भशेन' म्हळ्ळ्या उतराचो अर्थ कळ्ळो ना. तिज्या कानांक ते उतर विचित्र दिसलें. "आदले भशेन! कितें तें?" तिणें विचारलें. नागवेणीन "पांय पडटां, सांगूंनाका" म्हूण किळांच मारली. सानाम्मान आपणाली जीब चाबली. सरसोतीलें तोंडे कशें तरी जालें. पूण आतां चड उलोवपाक लावचें न्हय म्हूण ती ओगी रावली. नागवेणीन किळांच मारिल्ली पळोवन "भिवंनाका बाये, कांय जायना; देव आसा; आमी भार दवरिल्लो नरसिंव राखतलो" म्हूण सरसोतीन म्हळें.

नागवेणीन किळांच मारतनाच दोळे बंद केल्ले. कांय वेळ मेरेन कांय ना जावन पडली. भोंवतणी सगळीं जमलीं. तिगेल्या दोळयांक उदाक लावन वारो घालो. एका कोनशाक बशिल्ली वैजीण लागीं आयली.

मध्यानरात जाता म्हणसर सगळयांचीं तोंडां मोगरे भशेन फुल्लीं. नागवेणी पुरो जावन न्हिदली. तिका चलो जाल्लो. एक वर जालें तरी तिगेल्या तोंडांतल्यान उतर फुटलें नाशिल्लें. मुखार बशिल्लें सरसोतीन "बाये" म्हळें. तेन्ना भुरग्यान किळांच मारली. त्या कुकुल्याचें रडणें आयकून नागवेणीलें तोंड हांश्यान फुल्लें. "देवा सायबा!" म्हळें तिणें. "हय पुता, देव व्हड. कोणेंय हात सोडलो तरी देव हात सोडना" म्हूण सरसोतीन म्हळें. त्या उतरांतलो अर्थ कितें ते समजल्ल्यान नागवेणीन "तशें म्हणूं नाकात, तेय घरा येतले" म्हळें.

दुसऱ्याच दिसा ही बरी खबर बरयिल्ले कागद केरळा गेले. तातूंत "बारश्याक येवपाकच जाय" म्हळ्ळी मागणी आशिल्ली. परतून दुसऱ्या दिसा नागवेणील्या सांगण्या प्रमाण लचाक तारय केली. नित्राण जावन न्हिदिल्ले कडेन आसतना नागवेणी कुशींत रडत आशिल्ल्या गुलाबी कुकूबाळाक पळ-पळोवन खोस भोगताली. स दीस जाल्ले. सगळीं जाणां तिजे भोंवतणें बशिल्लीं. घरांत कितें कात तें पळोवन येतां म्हूण त्याच दिसा नागवेणीली सानाम्मा ऐरोडी गेल्ली. दनपारचें सगळयांनी जेवन जाल्लें. चोरडूं दोळे धांपून न्हिदिल्लें.

नागवेणी थंड आड पडिल्ली. तिणें कुशीक बशिल्ल्यांचे कडेन पळयलें. उपरांत ल्हवू "त्या दिसा हांवें किळांच मारिल्ली..." म्हळें.

"हय धुवे, तशें केन्ना केन्नाय जाता. त्या दिसा तुका भंय दिसलें?" सरसोतीन विचारले.

"हांव हांगा नाशिल्ली. तुगेली किर्ल्यंच आयकून आयलें" सत्यभामेन म्हळें. "तुका कितें दिशिल्ले भशेन जालें?"

"तशें कांय दिसलें ना. सानाम्मा कितें तरी सांगपाक सुरुवात करताली. ती सांगतली म्हूण भियेली."

"हां, 'फाटल्या पंता' म्हळळें अशें कितें आयकल्लें. कितें तें धुवे?"

नागवेणी हांसली. "तुमी नकळंत, हो म्हगेलो दुसरो गुरवाचार. आदले पंता तीन म्हैन्यारच..." म्हणत फाटली याद जावन ती रडली. ती तशी रडतच रावली. सरसोती आनी सत्यभामा कांयच नकळ जाल्ल्यान नागवेणीलें तोंड पळयत. "रडनाका धुवे, देव तुगेलो हात सोडचो ना" म्हळें. तांकां ही खबर सामकीच नवी आशिल्ली. "आमकां कोणें कांय सांगलें ना!" अशें तांकां दिसले. थोडो वेळ जातकर नागवेणीन "सानम्माक विचारात, ती सगळें सांगतली. म्हाका सांगपाक तोंड येना" म्हळें.

सानाम्मा ते रातीं आयली. फाटली खबर सगळी तिणें सांगली. घोवाक लागून तिका जाल्ली पिडा, गर्भ पडिल्लो, उपरांत तिका आयिल्ले सीकपण हें सगळें तपशीलवार सांगलें. आनी "ह्या पंता आपणालें चोरडूं जगतलें काय ना म्हळळें भिरांतेन ताणें किळांच मारली आसतली" म्हूणय सांगलें.

ह्या उतराक सरसोतीले एकच सांगणें आशिल्लें. "तूं कितेंय सांग धुवे, ही बायलांची जीण! फाटल्या जल्मांत खंयचें खंयचें पाप करून आयिल्लीं आसतलीं कोण जाणा. हो नरक भोगपाकच आमचो जल्म आसता; सुखाक न्हय."

नागवेणीक आतां चल्याल्या बारश्याचो विचार येतालो. घटके घटकेक "पत्र आयलां? तार पावल्या? तारेक जाप आयल्या?" म्हूण विचारत आसताली. घोवा वांगडा पुताक घेवन बसपाची तिका उमळशीक लागिल्ली. घोवावेल्या उपाट मोगान न्हय, तर समाधानान जीण जगपाक जाय म्हळळे उमळशिकेक लागून तिका तशें दिसतालें. णवव्या दिसा एक पत्र आयलें. नारायणमय्यान हंगारकट्टे पोस्ट कचेरींतल्यान ते कागद हाडून दिल्ले. कागद न्हय; तार! हांणी धाडिल्ली तार हांकांच परत आयिल्ली. जाका धाडिल्ली 'तो मनीस थंय ना' म्हूण ती परत आयिल्ली. तें पळोवन "तांकां खंय तरी बदली जाल्ली आसत" म्हूण नागवेणीन म्हळें. "बदली जाल्यार त्या पत्त्यार कागद धाडटाले न्हय? तो नोकरी सोडून खंय तरी गेलो आसतलो" म्हूण नारायणमय्यान म्हळें.

सुयेरांतले दीस फकत न्हाणानच सोंपयले. बारसो करपाची तिगेली इत्सा तशीच उरली. पूण चोरडाक खंयच्या नांवान आपोवचें म्हळळो प्रस्न आसता न्हय? बारसो जाल्यार आज्यालें नांव दवरपाक जातालें म्हूण जाण्ट्यांक दिशिल्लें. पूण आतां "धाकटो वो पुट्टू" म्हूण आपोवचें म्हूण सगळयांक दिसलें. 'धाकटो' म्हळळें नांव फकत तीन-चार दीसच घोळळें. "पुट्टू" म्हळळेंच सगळयांक गोमटें दिसलें आनी सगळे ताका त्या नांवानच उलो मारपाक लागले. पुट्टालें करतां करतां नागवेणी मनांतलो त्रास विसरताली. चोरडूं आंगान बरें जाल्लें. दोन म्हयन्या रजेर आयिल्लो आजो वासुदेवय्या येतनाच नातवाक भांगरा

सरपळी घेवन आयिल्ले. तांणी रजेंतले अर्द दीस नागवेणीगेरच काडले. नातवाक घेवन अपुरबाय कितलीय केली तरी तांकां पुरो म्हूण जायनाशिल्लें. एक दीस धूव एकटीच आसा तें पळोवन, "तुका परत दीस गेल्यात म्हूण आयकना फुडें म्हजें काळीजच उडिल्लें. गेल्ले खेपेक भोगिल्ली तसली नरकयातना भोगची पडटली काय म्हूण भिल्लों. तूं सुखरूप बाळांत जाल्लें आयकना फुडें मन धादोस जालें" म्हळें.

मदींमदीं आक्काक मेळपाक तिगेली धाकली भयण कृष्णवेणी येताली. आतां तिका बारावें वर्स. नागवेणीन बापायकडेन "बाप्पा, कृशणीक ह्या वर्सा लग्न करतलो न्हय?" म्हळें. "तुगेल्या लग्नानच हांव भियेल्ले कडेन आसां. तुजे भशेन तिका आनी नरकवास नाका!" म्हूण तांणी म्हळें. "कितें करचें? म्हज्या नशिबांत हें सगलें बरयिल्लें आसा म्हूण जालें. ताका तशें कशें जायत?" म्हूण नागवेणीन म्हळें. "तशें नशिबांत बरयिल्लें कळचें तें लग्न जाले उपरांत न्हय? हांवें कुंदापुरांत हो चलो कसो म्हूण कोणाकय विचारल्यार कळटलें आशिल्लें. आतां सगळेच सांगतात. तो पयलींसाकून तसलोच भिकनाशी म्हूण" वासुदेवय्यान म्हळें.

नागवेणीक आनिकूय वायट दिसलें. लच्चाल्या लग्ना आदली गजाल बापायनय सांगलीं नाशिल्लीं. मंगळुरात आसतनाच घोव वायट मारगाक लागिल्लो आसतलो अशें तिका दिशिल्लें. कशेंय जावं आतां कितें ताजें म्हूण बापायक "तांणी एक पटी तरी घरा येवचें अशें कर. कितेंय जालें तरी ते चोडराले बापूय न्हय?" म्हळें. ह्या उतराक बापायली एकच जाप- "तें किडकें भांगर; तें केन्नाच सुलाखे भांगर जावपाचें ना. हांव तागेली चवकशी करत आसा. तो लागसारा खंय ना. केरळांत तो आपणाल्या सायबाकडेन वाद घालून काम सोडून गेला म्हूण आयकल्लें" म्हळें. ह्या सांगण्यान नागवेणी चड येवजणेंत पडली शिवाय तिका समाधान दिवप तांकां जमलें ना.

खरें म्हळयार, त्या वर्सा मंगळूरा वचचे आदीं व्हडल्या चल्याक आनी धाकटे चलयेक लग्न करपाची वासुदेवय्याली गडबड चलताली. चलो तांचे भशेन वकील जाला. पदवी घेवन मंगळूरा आयला. तो कसोय लग्नाचो जालाच. आतां मेरेन ताणें लग्न नाका म्हणील्ल्यान तागेल्या मान्यताये खातीर लग्न उरिल्लें. आतां घरांत येवन रासपडिल्ल्या जातकांतलें खंयचें जातक जायत म्हूण सांगचें हो विचार वासुदेवमय्याक सतायतालो. पूण चलयेविशीं तशें न्हय. सोयरीक करपाक लोक जरी आयले तरी न्हवरो भुरगो कसो आसा हाजी पूर्ण चवकशी केलेबगर मुखार पांय दवरपाक तांका धैर्य नाशिल्लें. "जाल्लें एक लग्नच पुरो" म्हूण ते म्हणटाले. 'जाय जाल्यार न्हवऱ्या भुरग्याक पयलींच घरांत हाडून दवरचो, तागेली जोकून मापून परीक्षा करची आनी त्या उपरांत लग्ना विचार करचो अशें तांकां दिसतालें. पूण कांयच नकळ आशिल्ल्या गोमट्या बुकल्याक हाडप आनी उपरांत तो वागटो जावन निराश जावपाचो प्रसंग नाका' म्हळळया निर्णयाक ते पाविल्ले.

वासुदेवमय्या सारक्या गिरेस्तांक आनी तोंडाबळ आशिल्ल्यांक ह्या दिसांनी सोयरीक करपाक तापत्रय कसलो आसत? लच्चाले करणेक लागून तांकां भिरांत आसत; पूण गांवचे सगळेच लोक काय इबाडिल्ले नासतात. बऱ्यां कडसूनच सोयरीक आयली. सदाशिवाकय लग्न जालें. तागेलें भयणीक त्याच घरांत दिवन सदली बदली लग्न केलें. तोय शिकिल्लो आशिल्लो. सदली बदली लग्न केल्यार सोयऱ्यांक एकमेकांचो मुलाजो उरता आनी तांचेमदीं

वायटपण येवपाक संद नासता म्हूण तांका खातरी आशिल्ली. कशेंय आसूं, ऐरोडींत जाल्या आपणालें भैणील्या लग्नाक, नागवेणी चल्याक घेवन वचून आयली. पूण भावाल्या लग्नाक वचपाक तिका जालें ना. हीं दोनूय लग्नां पावसाक सुरवात जातनाच जाल्ली. ताजे नंतर वकील ऐरोडी साकून आपणाल्या धंद्याखातीर मंगळूरा गेले.

कोडींतल्या घरात तीग अनाथ बायलो "पावसाचे थेंबे मेजत बसचें, काय थोडें शेत तरी रोवचें?" म्हूण येवजीत बशिल्ल्यो. सरसोती तर "म्हज्यान जाता ती धडपड हांव करतां" म्हणटाली. पूण घरा लागसारा आशिल्ल्या शेतांत वचून येवचे परस तिज्यान तशें चड काम जायत अशें दिसनाशिल्लें. सत्यभामा घोव आसा मेरेन शेतांत पांय दवरिल्ली न्हय. पूण आतां वेळ काडपाक तरी जाता न्हय म्हूण तिणें "एकूच एक मुडी बीं घालया" म्हळें. त्या पावसांत 'स्वता रोयलें' म्हणपा इतलें नांवापुरतें शेत तांणी रोयलें. अशें केल्ल्यान नवरात्री दिसा नवे जेवणा खातीर हेरांगेरचें भात हाडून, तें कांडून, दुदापायस करपाचो प्रसंग तांचेर आयलो ना. नागवेणीन "मुखाल्ल्या वर्सा उणें म्हळयार तीन मुडी शेत रोवपाक जाय. आतां चिटमिटकी रोवपाक जाय, मूग घालपाक जाय. तवंश्यावालींक उदाक घालप जमना, तें नाका" म्हूण विचार केलो. तशें तिका शेतांतलें कांयच कळना. पूण 'घरांतच बसून खावपाक बरें दिसना" ह्या सरसोतील्या विचाराक तिजो तेंको आशिल्लो.

पूण तिगेले विचार सोपे तरेन पूर्ण जाले नात. पुट्टाक सव्या म्हयन्यार लिव्हराचो त्रास सुरु जालो. भुरग्याचें हांसप, खेळप बंद जालें. दीसभर तो रडपाक लागलो. नागवेणीलें लक्ष शेताकडेन लागना जालें. भुरग्याचीच चिंता लागली. घरांतलीं जाणटीं खंयखंय वचून वखदां हाडपाक लागलीं. गांवांतल्या सगळ्या देवांकडेन सांगून घेतलें. नवरात्री उपरांत तीन म्हयने मेरेन त्या सगळ्यांनी काडिल्ली काडाओडी सांगची न्हय. पूण ताजें सार्थक जालें ना. एक दीस पुट्टु चौकेर हांसत न्हिदिल्लो. त्या दिसा तो सदांभशेन रडनासतना हांसत आशिल्लो. "ता, ता, ता" तालार गावपी भुरग्याक पळोवन नागवेणीन सरसोतीक "कोण जाणा, आज चल्यालें तोंड हांसरें दिसता" म्हळें. उपरांत तिणेंच "खंयच्या तोंडान हांवें तशें म्हळें रे पुता!" म्हूण रडची पाळी आयली. भुरगो त्या दिसा परस चड दीस जगलो ना! आपणाली सगळी चिंता विसरपाखातीर म्हूण जाचेर सगळो जीव ओतिल्लो, ताणेंच हात सोडप? तीन दीस मेरेन तिणें व्हांवयिल्लीं दोळयांदुकां सांगची न्हय. "तांचे तोंड पळोवपाचेंय नशिबात नासतना हाणें मरचें पडलें न्हय!" म्हणत ती रडरडरडली. सत्यभामेन सुनेचें समाधान केलें. आपणाल्यो आंतकड्यो पिंरगळिल्ल्याच्यो वेदना जाता आसतनाय ती दाबून दवरून "नागू, पुता, जें आमगेल्या नशिबांत बरयलेंच ना, तें येवजिलें म्हूण फायदो आसा? ताजें रुण सोंपलें, ताणेंच ताका व्हेलें" म्हळें. सरसोतीक हालीं हालीं मरणांची संवयच जाल्ली. नागवेणीन रडिल्ल्या वेळार तिज्याय काळजाक चरे पडटाले. पूण दुसऱ्याच खिणाक, खंयची तरी भागवतांतली काणी वो महाभारतांतली काणी येवजून "पुता, नागू, गांधारीन शंभर जाणांक जल्म दिलो. पूण निमणो कोण उरलो सांग? आमी येवप कित्याक, वचप कित्याक कोण जाणा! भुरग्यांक जल्म दिवप वा तांचो सांबाळ करप आमगेल्या हातांत आसना. ताजो कितें तरी एक हिशोब आसा. आमकां तो सगळो खंय कळटा?" म्हळें. सरसोतीन सांगिल्ली एकेक काणी नागवेणीक दुःखावेळार मनाक मात समाधान दीत आसताली. "आत्या, तुवें पळयिल्ल्या हजार त्रासांतले एकय हांवें पळयलें ना. तरी म्हजें नशीब पळोवन

मन कळवळटा. हें सहन करपाक हांव यत्न करतां'' अशें ती तेन्ना म्हणटाली.

एक दोन वर्सां सोंपली तरी लक्ष्मीनारायणरायाली खबर कोणाकच मेळळी ना. निमाणें एक दीस शीनमय्यालो व्हडलो चलो घरा पावलो. आपणाल्या बापायन हांतुळण धरला म्हूण कळिल्ल्यान तो आयिल्लो. सरसोतीय शीनमय्याल्या मरणा आदीं तांगेर पविल्ली. ''सरसोती, आयलें तूं!'' म्हूण शीनमय्यान म्हळें. ''तुगेल्या लच्चाल्या चल्याचें तशें जालें खंय. देव आमचे सारक्यांक व्हरचे सोडून त्या सान भुरग्याक व्हरून करता कितें?'' अशेंय तांणी म्हळें. उपरांत भायर आयिल्ल्या वेळार सरसोतीन ''नरसिंवा, आमगेल्या लच्चाली तुका खबर बी आसा?'' म्हूण तांगेल्या चल्याक विचारलें.

''लच्चाली खबर ना जावपाक कितें जालां?'' ताका कितें? बौरींगपेटेत तो मजेंत आसा. केन्ना केन्नाय आमगेल्या बेंगळूरांत पावता. आमगेरय येता. थंय खंय तरी कामाक आसा खंय. पूण कोणेंतरी म्हळें, सगळेंच व्होगडावन बसला म्हूण. कितेंय जावं केन्ना केन्नाय नदरेक पडटा. हांवें येवचे पंदरा दीस पयलीं मेळिल्लो. घरच्यान कागद आयलां म्हणटालो.

''सगळें फट पुता. घरचें तोंड पळयनासतना ताणें तीन वर्सां जायत आयलीं. खंय उरता तें एक दोन पंता कळयिल्लें. मुखार तेंय ना. कागद बरयतना, इतले धाडून दी, तितले धाडून दी म्हूण बरयतालो. धाडपाचे बंद केलें तशें बरोवपाचें थांबलें.''

त्या दिसा नरसिंवाक चड उलोवप जमलें ना. शीनमय्यालें सीकपण म्हातारपणाचे सीकपण. तांचेकडेन ताणें लक्ष दिवपाक जाय आशिल्लें. सात-आट दिसांत शीनप्पमय्यान हें जग सोडलें. तांगेलो बारावो सोंपमेरेन सरसोती शेजाऱ्याल्या दुःखांत भागी जाली. तांगेर आतां घरांतली वैवाट कोणें पळोवची म्हळो प्रस्न आयलो. व्हडल्यान घरांत रावचें, काय धाकट्यान? कोणें रावल्यार बरें हाजो निर्णय घेवपाक जाय. निमाणें घरच्ची वेवस्था तिसऱ्या भावान, ओरटान, पळोवची म्हूण जालें. नरसिंवान बेंगळूरा वचचें पडलें. वचचें पयलीं गांवांतलीं देणीं घेणीं पळोवपाक जाय आशिल्लीं. लच्चान मय्याकडसून घेतिल्लें रीण एक आशिल्लें न्हय? आज्यान दवरिल्ली इश्टेट घाणाक दवरून काडिल्लें रीण तें. ताजें कळंतरय तो मेरेन पावलें नाशिल्लें. अशे तरेन मुदल आनी कळंतर मेळन तीन हजारांपरस चड जाल्ले. लच्चाक विचारल्यार ताजो उपयोग जावपाचो ना हें जाणा जावन नरसिंव नीट ऐताळागेर आयलो. येवन थंय सरसोती कडेन ''कशीं आसात माये?'' म्हूण विचारलें. ते वटेन नागवेणी कसल्या तरी कामांत आशिल्ली ''ती तुमगेल्या लच्चाली बायल न्हय?'' म्हूणय ताणें विचारलें.

सरसोतीन अपरूप आयिल्ल्या नरसिंवाक येवकार दिलो. ''ती पुता? आमगेली नागू; खंयच्या वेळार लच्चालो हात धरलो कोण जाणा! एकय दीस तिका सूख मेळळें ना. आमचे सारक्यांक घोव नासतना वैधव्य आयल्यार, ती आसूनय वैधव्य भोगता'' म्हूण आपणालें दुःख परगटायलें.

नरसिंवाक आपूण आयिल्ल्याचो उद्देश सांगपाक बरोच वेळ लागलो. बायलांनी सांगिल्ली त्रासा खबर आयकून सोंपल्या उपरांत ताणें आपणाले त्रास सांगपाक सुरवात केली. ताणें ल्हवूच ''म्हाका हांगची चड खबर ना. पूण आमगेल्या घरांतले रिकॉर्ड पळयतना तुमगेल्या लच्चान घाणवटार घेतिल्ल्या रिणाचे सुमार तीन हजार रुपय येवपाचे आसात अशें दिसलें. ताजो वायदोय सोंपलो. रीण घेतलें तेन्ना साकून एकय पयसो पावयलो ना. हांव आनीक स

म्हयन्यांनी गांवाक येतलों. तो वेळ मेरेन कितेंय वेवस्था करात'' म्हळें.

सरसोतीक जावं, सत्यभामेक जावं ही कसलीच गजाल खबर नाशिल्ली. इतलें कित्याक? राम ऐताळा फाटल्यान केल्ल्या कारभारा विशींय तांकां खबर नाशिल्ली. लद्यान शीनमय्या कडसून घेतिल्लें सगळें रीण उपरांत घाणवट रीण म्हूण केल्लें. पूण ते आतां पावोवप कोणें? घराची बुनयाद आनी जाणट्यांची मूळ इश्टेटच घाणाक दवरली म्हूण जेन्ना कळळें तेन्ना तर सरसोतीक खूब वायट दिसलें. ही खबर ऐरोडीक पावली. थंयसून वकिलाक पावली, ''फुडले रजेंत येवन हांव सगळें सारकें करतां'' म्हूण तांणी कळयलें.

रजेंत ते आयले. ह्या रिणाक लागून नरसिंवय बेंगळूरसाकून आयलो. ताजे कडसून रिणा खातीर दावो घालपाक लावचो म्हूण थारायलें. कोर्ट परतून सुरू जालें. दावो दाखल केलो. स म्हयने मेरेन अशेच गेले. लद्याक कोर्टा कडसून आपोवणें पावलें तरी मुखार कितें जातलें हें तो जाणाच जाल्ल्यान तो ओगीच रावलो. ह्या वाठारांत ताणें पांय दवरलो ना. लिलांवा वेळार घरा जागो नागवेणीकच मेळ्ळो. पूण पयसो वचपाचो तो गेलोच. वकिलान धुवेक ''जांणट्यांचें घर ताणें विकिल्लें जाल्यार तें सामकेंच वतालें. आतां लिलावाक घेतिल्ल्यान तुगेल्या नांवान तरी जालें'' म्हळें. ''आतां उरलें कितें? ना उरलें कितें? जाल्लो चलो जगिल्लो जाल्यार जीव धरून कशेंय जगपाक जातालें. आंता तेंयना. कोणाक हें घर? कोणाक जाय ही इश्टेट?'' म्हूण नागवेणीन म्हळें. बापायक हें उतर आयकून वायट दिसलें. तांणी मनांतच ''हांवें नागवेणीक म्हज्या हातानच फोंडांत घाल्ले भशेन जालें!'' म्हळें.

वर्स रावना. ते कोणाकच रावना. ''लक्ष्मीनारायणाक बुद्द येवंदी'' म्हूण तें कशें रावत?

सोंपिल्ले दीस मेजपाचेंच काम आतां नागवेणीक उरिल्लें. जेश्ट म्हयन्यांत भात रोवप, मुखार कार्तिक म्हयन्यांत कुळीद रोवप, मकर संक्रांतीक तवंश्यां पोरसूं करप असो सगळयांचो ती हिशेब करताली. मदीं मदीं 'गळयाक मणी बांदून इतलीं वर्सां सोंपली; तांचें तोंड पळयनासतना इतलीं वर्सा जालीं; पुट्टान वचून इतले दीस जाले' अशे येवजिताली. तिगेल्या वांट्याक आतां सरसोतीच भुरगें कशें जाल्लें. सरसोतीली पिराय सत्तराकडेन पाविल्ली. आंगाजें मांस हाडाक चिकटल्ले. दोळे मातमातशें दिसताले. जाणा जाल्ल्या जाग्यारच तिका पोरशीत पोरशीत वचपाक जाताले . असले सरसोतीकडेन घटके घटकेक उलोवपाक मेळटा म्हळ्ळेंच नागवेणीक समाधान आशिल्लें. तिका सरसोती त्या घरांतली एक देवता कशी दिसताली.

सरसोती तिगेलो हात धरून आपणाल्या भुरगेपणांतल्यो खबऱ्यो सांगताली. आपणाले हुलपल्ले जिणेंतल्यो गजाली सांगून ती खंत परगटायताली. पारोतीलो हात धरल्या उपरांत राम ऐताळान जाय ते दीस मेरेन केल्ल्या संसाराची काणी सांगताली. निमाणे ''इतलें सगळें पळयिल्लें हें सुकिल्लें पान मात मरणा हुंवारांत व्हांवन वचनासतना कित्याक रावलें?'' म्हूण अखंदेताली. तेन्ना नागवेणी भुरग्याभशेन ''आत्या, हांव आसा मेरेन तुवें उरल्यार पुरो'' म्हणटाली.

''पुता, तुजी पिराय अजून ल्हान; तुवें आनी जगपाक जाय. देवान मुखार तरी ताका बरी बुद्द दिवन तुजें सामखार हाडून उबे करपाक जाय. पूण हांवें जगून कितें जावपाचें उरलां?'' म्हूण सरसोतीन एक दीस म्हळें. ''तरी पुता, म्हाका एक पिशें! कितें कोण

जाणा, जावची न्हय, वचची न्हय, असली एक आशा मात मनाक सतायता. अण्णा आसतना सांगल्यार, ताजे कडेन करपाची तांक आशिल्ली. आतां तें एक अरण्यरोदन'' अशेंय तिणें मुखार म्हळें.

''कसली आशा ती, आत्या? तुमगेली जीणच एक यज्ञ कसो'' नागवेणीन म्हळें. ''तशें न्हय पुता, मरचे पयलीं काशीक गेल्यार जातालें. देवान थंयच म्हाका सद्‌गत दिल्यार जाताली. पूण तें भाग्य सगळयांक मेळना. कांयच न्हय जाल्यार म्हाका भागीरतीच्या उदकांत बुडून येवपाक मेळ्ळयारय जातालें. आतां आनीक कितें जातलें? दोळे फुटल्या उपरांत, भाच्यान धर्म व्होगडायल्या उपरांत काशी कितें? कुंभमेळ कितें? सगळें घरांतच'' म्हळें.

सरसोतीन आपणाली इत्सा भागोवपा खातीर काशीच्यो जाय त्यो काणयो सांगल्यो. आपणाल्या बापायन, म्हळयार कोदंड ऐताळान, पांयान काशीयात्रा केल्ली खबरय तिणें नागवेणीक सांगली.

सवो गुडी पाडवो आयलो. सवो गुडीपाडवो म्हळयार, पुट्टान नागवेणीक सोडून गेल्लें सवें वर्स. तेन्ना साकून नागवेणी घर सोडून पयस गेली नाशिल्ली. केन्नाय तरी सक्काळीं ऐरोडी वचून सांज मेरेन घरा पावताली. दोळयांक दिसनासतना सरसोती खंय तरी तळयांत पडत वो आपटून पडत म्हूण भीतभीत धांवनच येताली. तिका सोडून पयस गेल्यार तिज्या हुसक्यान नागवेणीक धार उरनाशिल्लो

गुडी पाडवो सोंपलो. वैशाख म्हयनो आयलो. धुवेक मेळपाक वकील आयले. सगळयां कडेन उलोवन जाल्या उपरांत लच्चाली खबर सांगपाक लागले. ''म्हैसूर, बेंगळूरा वता, गेल्ले कडेन हॉटेल दवरता, रीण काडटा. जुगार बी खेळटा, रीण करत धांवपळ करता. ताजें आतां अशेंच चल्लां खंय. पयर हांव घरांत नाशिल्लो वेळ सादून सदाशिवाक मेळपाक आयिल्लो खंय. निमाणें गांवा वचपाक मोटाराक पयशे जाय म्हूण ताजे कडसून पांच रुपया घेवन गेलो खंय. जेवपाक राव म्हळयार रावलो ना.'' म्हळें.

सरसोतीन ''अजूनय ताका बुद्ध येवन ताणें हे बायलेचो सांबाळ केल्यार जातालो'' म्हळें.

''सांबाळचें कितें? मारन्ने कितें?'' वकिलान बेजारून म्हळें.

''गांवांत तो आयला तर?'' सरसोतीन विचारलें.

''हांव गांवांत आसमेरेन तो हांगा येवपाचो ना. त्या उपरांत पैशे उठोवपाक येतलो. पयश्याविशीं विचारल्यार बापायक विचार म्हूण ताका सांग नागवेणी'' बापायन धुवेक शिटकायलें.

ते रातीं वासुदेवमय्या थंयच रावले. ते नागवेणीकडेन उलयत दीसभर बशिल्ले. धाकले चलयेली खबरय तांणी उमेदीन सांगली.

''दोगांय मद्रासांत आसात. वयलेवयर घरा कागद बरयतात. जांवय खूब बरो. शंभर रुपय पगार आसा'' म्हळी खोशयेची खबर तांणी सांगली. तशेंच नागवेणील्या भावांचीय खबर सांगून जाली. ते उमेदींत आसात ती वेळ सादून नागवेणीन ''बाप्पा, हांव एक काम सांगतां; ना म्हणू नाका'' म्हळें. ''कितें धुवे?'' बापायन प्रस्न विचारलो. ''खरेंच करतलो?'' म्हूण तिणें परतून विचारले. ''म्हज्यान जाता जाल्यार करताच'' तांणी म्हळें. ''दुसरें कांय न्हय. सरसोती आत्याक पिराय चड जाल्या. हें घर हांगा आसा ते तांकां

लागून. तांची एक इत्सा आसा. ती पूर्ण जायत?''

''कसली इत्सा धुवें?''

''काशीक वचून येवचें म्हूण म्हणटात. तोंड उगडून सांगपाचें धैर्य ना; हें कुडें वजें कोण व्हांवयतलें काय म्हणटात. तांगेले पुण्यायेन तरी म्हजे ग्रहचार ना जाल्यार...'' म्हळें.

वासुदेवमय्या थोडोवेळ उलयले नात. निमाणें ''जायत धुवे. म्हजेय केंस पिकत आयल्यात. म्हजी वकिली सदाशिवाक दीत आयलां. तुकाय वांगडा घेवन वतां. तांकांय घेवन वतां.''

नागवेणीन ''हांव येना बाप्पा. मांय येता काय विचारतां. हांव हांगाच म्हजी काशी करतां'' म्हळें. वासुदेवमय्याक धुवेचें मन बदलप जमलें ना. निमाणें त्या घरातल्या दोगांय जाणट्यांनी वचप म्हूण थारायलें. वकिलान दुसऱ्या दिसासाकून यात्रेची तयारी सुरु केली.

दुसऱ्या दिसा नागवेणीन ''बाप्पा काशीक वता खंय, तुमकां दोगांकय घेवन वतलो'' म्हळ्ळयाक सरसोतीन ''धुवे, म्हाका इतलें आयकल्लेंच समाधान जालें. म्हजे सारक्या कुड्याक व्हरून तांकां त्रास जावचो नाका. हांवें वाटेर जीव सोडल्यार कितें गत! म्हाका लागून कोणाकय त्रास जायनासतना रावत तर तीच एक काशी यात्रा न्हय? सत्या, तूं वच बाये'' म्हळें. सत्यभामेक खोस जाली. ''पूण घरांत कोण?' म्हळ्ळो विचार आयलो. नागवेणीचो चडच आगरो जालो. ''कितेंय जावं, तुमी दोगांनीय वचपाकच जाय'' म्हूण दोळ्यांत दुकां काडून तिणें जाणट्यांक खूबच सांगचें पडलें. ''रेल्वे आसा, मोटार आसा, एका म्हयन्यांत वचून येवपाक जाता. आतां कितें चमकत वचचें पडटा तर?'' म्हूण आगरोच केलो. तिगेल्या दोळया उदकानच अखेर जैत मेळयलें. घरांतल्या जाणट्यांनी काशी यात्रेक वचपाचें म्हूण निश्चीत जालें. बीं घालून रोप लावन गेल्यार कापणी मेरेन परत गांवांत पावपाक जाता म्हूण येवजण घाली.

तसो वचपाचोय दीस आयलो. नागवेणी खोशेन फुल्ली. वचपाच्या आदल्या दिसा रातीं ती आत्याकडेन ताळो सुक मेरेन उलयली तरी उतरां सोंपली नात. तांकां आपोवन व्हरपाक वकीलय आयिल्ले. सगळे काशीयात्रेक वचपाक तयार जाले. घर सोडचो वेळ आयलो तसो सरसोतीलो गळो भरून आयलो. ''नागू, हांवें परत पावप तितलेंच! पूण देवान तुका राखल्यार हांव खंयूय मेल्यार जाता'' म्हळें. ''तुमी हांगा परत आयले शिवाय रावचीं नात; तुमगेले पांय चेपचें भाग्य म्हाका मेळटलेच'' म्हूण नागवेणीन तिका समाधान केलें.

म्हातारेक मेण्यांत न्हिदोवन व्हरपाचो नागवेणीन आगरो केलो. ''ना, हांव चमकत वतां. जाणटेले काशीक वताले तेन्ना सगळी वाट चमकत गेल्ले खंय'' म्हूण सरसोती हट घेवन बसली. निमाणे नागवेणीलो हात धरून सरसोतीन न्हंयचे तडेमेरेन वचून आपणालो हट खरो केलो. गांवचे लोक वाजंत्र्यासैत थंय मेरेन येवन तांकां निरोप दिवन परतले. नागवेणी ऐरोडीक गेलीं. सगळयानी थंयच्यान वच मेरेन ती तांकां पळयत रावली. परतून दोळयां दुकांनी निरोप घेतलो.

नागवेणी आपणाले पोले ओले करत घरांत आयली. सानबाप्पान ''एक रात रावन वच. थंय तुमगेल्या घरा मानाय धाडटां'' म्हळयार ''घरांतल्या देवाक हांवेंच दिवो लावपाक जाय. आत्या आसतना तिणें तें काम एकूय दीस चुकयलें ना. वतना तें काम करपाक तिणें म्हाका सांगलां. तें तरी हांवें करचें नाका?'' म्हळें. सानबाप्पा परत कांय उलयलो ना.

नागवेणी फाटल्यान वासुदेवमय्यान सांगिल्लो मानायय आयलो. ती घरा पावली. घरा पावतना घरा आंगणांत कोण तरी हांगा थंय भोंवता सो दिसलो. मानायान "भाटकान्नी, तो कोण तरी चोर आसत. तुमी घरा नाशें पळोवन आयलो काय कितें?" म्हळें.

"चोराक आनी कितें मेळत?" म्हणत नागवेणीन ते वटेन चोयलें. कोणतरी दिसतालो खरो. तिणें घरा पावमेरेन ती व्यक्ती थंयच आशिल्ली. थंय पावली तरी तिका तो कोण म्हूण कळ्ळो ना. आंगावेले पिंदिल्ल्यान ताजें रूप विचित्र दिसतालें. विस्कटिल्ले क्रॉपाचे केंस, सात-आठ दीस खाड काडनाशिल्लें तोंड, न्हीद खळिल्ले दोळे, ह्या सगळयाक लागून ताजें रूप चडच विचित्र दिसतालें.

मानायान "कोण थंय?" म्हळें.

ताणें जाप दिली ना.

"कोण?" म्हूण मानायान धेंगसो घालो. "हाड्त, हांगा कसलें काम? घरातले नाशिल्ल्या वेळार?" म्हळें. ती व्यक्ती हांसली...

नागवेणीक दुबाव आयिल्ल्यान ताजे लागीं गेली. "तुमी! आयले...! जेवण जालें?" म्हूण विचारलें.

"आयलों. वळख मेळटा न्हय?" ताणें म्हळें.

मानायालें तोंड पळयत तिणें खोशेन "आमगेले हे!" म्हळें.

ते रातीं नागवेणी विचित्र प्रकारच्या भावोन्मादान घुस-घुसताली. अपूर्व मीलनान खोस जाताली. तितलीच व्यथाय जाताली- घरांत सरसोती ना म्हूण. घोवालें दर्शन घडिल्ल्यान जाल्ली खोस सोंपिल्ल्या भुरग्याची याद येवन ना जाताली. जायते विचार येवन त्या दिसा तिगेल्या मनांत हुंवारो आयिल्लो.

○

18

लक्ष्मीनारायण घरा आयिल्ल्या दोन तीन दीस मेरेन सामको सोयऱ्या भशेनच आशिल्लो. नागवेणीकय ताका चड लागीं करचें अशें दिसलें ना. ताजे बद्दल तिका आत्मीयताय दिसनाशिल्ली. पुट्टाल्या मरणाक लागून तर ताजी तिका एक तरेची तिडक मारताली. पूण घरा आयिल्ल्या घोवाक वच म्हणचे इतली ती वायट नाशिल्ली. तशें म्हणपय बरें न्हयशें दिसलें. ती त्या त्या वेळार 'जेवचे जालें' 'न्हावचे जालें' म्हणटाली. न्हिदपाचो वेळ जालो तसो चौकेर एक हांतुळण घालून दिताली. आपूण घरांत भितर वचून न्हिदताली. घरा भायर मानाय बी न्हिदतालो. लक्ष्मीनारायणान तिजे लागीं चड उलोवपाचो यत्न केलो ना. ताका आपूण गेल्लो तेन्ना साकून कितें कितें जाल्लें तें कळिल्लें. गांवांत पांय दवरचे पयलीं सगळी खबर ताणें मेळयिल्ली.

पूण सामकोच निराश जावन, उदास जावन बसपी तो न्हय. आयिल्ले दोन तीन दीस ओगी रावलो तरी चवथ्या दिसा ताणें तोंड उगडलें. नागवेणी रांदचे कुडींत ओलो जळोव फुंकून दोळे पुसपा वेळार ताणें भितर येवन "नागवेणी, हांवें रावचें काय वचपाचें?" म्हूण विचारलें.

"हांवें तशें म्हळां?" तिणें परत जाप केली.

"तुवें म्हळें ना. पूण तूं उलयनाय बी."

"म्हजे कडेन सांगपाचें कितें आसा म्हूण हांवें उलोवचे? आमी कोयर समजून माडोवन गेल्ले तुमी. आतां आमचेरच कित्याक उतरां मार?"

"जाल्लें जालें. म्हजें नशीबच फुटकें. हांवें कितेंय केलें तरी बरकत आयली ना. कितलेय त्रास घेतले तरी एकाक दोन लुकसान शिवाय फायदो जालो ना. पूण ते सगळे हाल सांगचे कोणा कडेन?"

नागवेणीक त्या उतरांचो कांयच अर्थ जालो ना.

"भायर घोळिल्लों पुरो. आतां हांगा रावचे खातीर आयलों" म्हळें.

नागवेणी ओगी रावली. तें पळोवन लक्ष्मीनारायण विचारांत पडलो. "कितें, हांवें हांगा रावचें नाका? तशें जाल्यार सांग. कोणाकय भार जावन रावची म्हाका इत्सा ना. ही म्हगेल्या बापायली बदीक आसूनय हांवें तुमचे सगळयां मुखार हात पसरावची पाळी आयली, मर्याद सोडून जगपाचो प्रसंग आयलो. तरी हांव हांगा रावतां म्हळें. तुका नाका जाल्यार हांव रावना. म्हजी म्हळळी जी थोडी बदीक आशिल्ली तीय रीण पावोवपाचें निमित्त करून तुगेल्या बापायन तुगेल्या नांवान करून दिली. इतलें सगळें आसूनय हांवें तुमचे कडेन हात पसरपा सारकें केलें न्हय?"

हो वेळ मेरेन नागवेणीन ओगी रावन घोवालीं उतरां आयकलीं. आतां तिकाय बेजार आयलो. ताणें उलयिल्लीं कुसकीं उतरां सहन जायना जावन "म्हज्या सुखाखातीर कांयच

केलें ना. तुमी सगळी लगाड काडची न्हय म्हूण तशें केलें. नरसिंहमय्याक दिल्ले तीन हजार रुपय कोणाक लुकसानेक पडले? तुमकांच न्हय. त्या बदलाक बांदिल्लें घर आनी घराण्याचें घट्टण जाल्लें जाय आशिल्लें? आतां हांगा आसा तें तुमकां न्हय तर म्हाका एकटेक बसून खावपाक?''

हीं उतरां बुदवंतकाय नाशिल्ली न्हय म्हणचे कशें? लक्ष्मीनारायण सामकोच गप्प पडलो. मुखाल्ले तीन दीस जेवप, न्हिदप, मदींमदीं एक दोन पटी आपणालो आदलो मित्र ओरटमय्या हांगेर वचून येवप हातूंतच सोंपले. गांवांत आयल्या उपरांत ताणें खाड केल्ल्यान आदलें भिकाऱ्यालें रूप ना जाल्लें. तरी लक्ष्मीनारायण आदलो नाशिल्लो. तागेलें पयलीचें भरिल्लें आंग ना जावन हाडा-मांसाचो गुळो कसो दिसतालो. तें पळोवन नागवेणीक बरे दिसलें ना. एक दीस जेवपाक बशिल्ल्या वेळार ''हें पोकें आंग घेवन कशें येवप जालें? आयल्या उपरांतय ओगी रावन दीस काडप कित्याक...? जाणा जाल्ल्या कोणाकडसून वखद करचें नाका? हांगा नाका जाल्यार उडुपीक वचून दागदरालें वखद करात'' म्हळें.

''दागदरालें वखद अशें जाता? पैशे ओतनासतना!''

''ताजे खातीर हांवें पैशे दिना म्हळां तर?'' तिणें म्हळें. त्याच दिसा सांजेकच लक्ष्मीनारायण तिजे कडसून पांच रुपय घेवन उडुपीक गेलो. परत आयिल्ल्या वेळार तीन दीस जावन गेल्ले. आयिल्लोच ''उण्यांत उणें पन्नास रुपय तरी वखदा खातीर जाय म्हणटात. आतां पिवपाक हें दिलां, कोडू वखद... कोणा न्हारवान हें पिवप?'' म्हळें

''सुमार जावपाक जाय जाल्यार पिवपाक जाय. पूण पन्नास रुपय हांव खंयच्यान हाडूं? बाप्पा, यात्रेंतल्यान परत येतलो तेन्ना ताजे कडसून घेवन दितां.''

''हेंच तें! म्हज्या घरांत हांव भिकारडो! तुवें अर्ज दिवन, तुका पैसो 'सेंक्षन' जावन म्हजो रोग सुमार जावपा वेळार हांव मसणाचे अर्द वाटेर पावतलों.''

नागवेणीन ओंठ चाबलो. आतां मेरेन कांय मसणा यात्रेची ती साक्षी आशिल्ली. आपणालो कुकूम पुसपाचीं उतरां आयकून तिगेल्या आंगाक जोगूल मारून गेल्ल्या भशेन जालें. त्या दिसा ती मोन्या भशेन ओगी रावली. दुसऱ्या दिसा सक्काळीं आपणालीं कांकणां काडून दीत ''हे घेयात, वचून वखद करून घेवन येयात. पथ्य, बिथ्य जें करचें आसा तें हांव पळयतां. दूद, तूप जाय जाल्यार हेर कडेन मेळचें ना'' म्हूण म्हळें.

नागवेणीले कृपेन ''फुडार बरो आसा'' अशें ताका दिसलें. दुसऱ्या दिसाच तो ओरटा कडेन गेलो. भांगरा वस्त थंय घोणाक दवरून पन्नास रुपय रीण घेवन तो उडुपी गेलो. उडुपींत वैजा कडेन तो गेलो खरो, पूण ताणें सांगिल्ले पथ्य आपणाक जमचें ना म्हूण ताका दिसलें. ''हे पिडेक बायलां लागीं वचपाक जायना'' म्हळळें पथ्य ताका व्हड कठीण पथ्य अशें दिसले. वैद्यान वखद दिल्लें तें बाटलेंत घेवन तो थंच्यान भायर सरलो. पथ्य करपाक घर योग्य सुवात न्हय म्हूण येवजून तो थंयच्यान नीट तेंकू पेटेंतले नायकिणीगेर गेलो आनी अंतर्धान जालो. थंयच्यान तीन दिसां उपरांत घरा पावलो.

आठ धा दीस वखद घेतलें. 'वखद हरकत ना' अशें ताका दिसलें. तशें पळयत तर ताका आपणाल्या घरांत रावप म्हळयार पयलीं साकून बेजारच येतालो. देखून तो हालीं जेवपाक मात घरा येतालो. उरिल्लो वेळ ओरटा सांगातान उरतालो. थंय गांवची सगळी खबरय मेळटाली. ओरटाली उचापत व्हड रीण दिवप, वसूल करप, कोर्टकचेरी करप,

बदीक विकत घेवप हें आसतालें. अशें जाल्ल्यान तागेर जाय ते जाण येवन वताले. थंय लक्ष्मीनारायण मजा करत वेळ काडटालो. तो गांवांत आयला म्हळळी खबर ऐरोडीकय पावली. वकिलांचो भाव एक पटी नागवेणीगेर येवन "नागवेणी, ताका जेवण खाण दिवचें नाका अशें हांव म्हणना. पूण पैसो मात एकय दिवंनाका आनी खोले भितरय येवपाक दिवंनाका. हालीं तर ताका गांवा नाशिल्ली पिडा लागल्या म्हणटात" म्हूण शिटकावणी दिवन गेलो.

ओरटाक गांवांत एकटो कोणूय हाता कडेन जाय आशिल्लो. बेंगळूरा साकून ताणें येवन एक-दोन वर्सां जाल्लीं. गांवची वळख हालींची. शिवाय हॉटेलांत आनी शारांत झेतान भोंविल्ल्या ताका हें गांवांतले रावप आवडलें ना. व्हडल्या भावाल्या उतराक भिवन तो त्या खेडेगांवांत आशिल्लो शिवाय आपणाले इत्सेन न्हय. अशा वेळार आपणालो सानपणातलो मित्र लक्ष्मीनारायण वांगडाक मेळ्ळो म्हूण ताका खोस जाल्ली. तागेले आवयन ताका शिटकायलें "तशें तागेल्या हातांत पडपाक हांव सान भुरगो तर? बेजार काडपाक तो एक साधन जाता इतलेंच" म्हूण ओरटान आपणालें आवयक समाधान केल्लें.

लग्नान गांवांत येवन देड म्हयनो जाल्लो. वेळावेळार जेवण खाण मेळिल्ल्यान तागेलें दुस्काळांतले रुप ना जावन तोंडार थोडें तेज आयिल्लें. तरी पूण पिडा रोखडीच ना जावपाची नाशिल्ली. शिवाय ताणें ताजे खातीर केल्लें पथ्य तितले पुरतेंच आशिल्लें. थंय आशिल्ल्या काळांत एक जोड कांकणां आनी पन्नास रुपयांचे उदाक जाल्लें, तागेल्या शरिराक ताजें फळ मेळिल्लें.

तो कामातूर जावनय ताका नागवेणीकडेन उलोवपाची धिटाय नाशिल्ली. "दोन भुरगीं मेलीं तें पुरो जालें ना?" म्हूण म्हणटली म्हळळीं भिरांत आशिल्ली. शिवाय सांज जाली तशें ती हाजे कडेन भिरांतेन पळयत जाग्रतायेन वागताली म्हळळें तागेल्या लक्षांत आयले बगर रावलें ना. अशें जावन एक दोन पटी "हांव एक कुष्टरोगी जालां न्हय?" म्हूण तिका लागसारकें तो उलयलो. नागवेणी कांय उलोवपाक शकली ना. एक पटी यात्रेक गेल्ली मंडळी येत तर आपूण वांचली म्हूण तिका दिसलें.

यात्रेक वचून येवपाक कितें यूग लागता? कोदंड ऐताळ तांच्या बापाय वांगडा पांयान चमकून आनी रेल्वेन अर्द प्रवास करून नाका शिव जावन आयिल्लें भशेन आतांची यात्रा नासता. पांय जमनीक लायनासतना काशीक वचून पावपाचो काळ हो. वकील फकत सात सप्तकांत काशी, रामेश्वर सगळें सोंपोवन घरा पावले. नागवेणीन धांवत ऐरोडी वचून जाणट्यांक येवकार दिलो. आत्याल्या कानांत ल्हवूच नागवेणीन "तुमी गेल्ल्या दिसाच ते आयले!" म्हूणय म्हळें. "तो आयलो कितें, ना आयलो कितें!" म्हूण तिणें जाप दिल्ली.

सत्यभामा आनी सरसोती आपणाल्या घरा पावलीं. ते दोन दीस तांगेलें घर जात्रेन भरलें. गांवच्यो सवाशिण्यो, म्हातारे कोतारे येवन येवन वताले. "आजे, तुमची योग्यताय म्हान! ना जाल्यार हे पिरायेंत तुमी यात्रा सोंपोवन येतात म्हळयार हो देवालोच खेळ म्हणपाक जाय!" म्हूण तिज्या पांयार ते घालून घेताले. सत्यभामेकय आपूण धन्य जाली अशें दिसलें.

घरा येत साकून सरसोतील्या तोंडार आतां हांशें व्हांवतालें. तिगेलें मन शिमेभायर तृप्त जाल्लें. "धुवे नागवेणी, तुगेल्या बापायन हें घडोवन हाडलें. तुवें म्हजी इत्सा पूर्ण केली. तें

पुण्य तुका मेळ्ळे बगर केन्नाच उरचें ना, पुता'' म्हूण परतपरतून नागवेणीक आशीर्वाद दिताली. तिगेली फुलिल्ली खोस आपणाकच जाल्या काय अशें नागवेणीक दिसतालें. ''तुमगेली सगळयांली पुण्याय तांकां बरे करपाक उपकारली जाल्यार...'' तिणें म्हळें. ''देवाल्या मनांत आसल्यार कितें जायना?'' सरसोतीन म्हळें. तीं उतरां आयकून सत्यभामेन मनांत ''कांडण ज्या दिसा किल्लतलें त्या दिसा ताका बरी बुद्द येतली'' म्हळें. लच्चाय त्या दिसा घरा आयिल्लो. लोक येवपाचें उणें जालेशें पळोवन उपरांतच ताणें घरांत पांय दवरिल्लो. तो आपूण जावन कोणाकडेन उलयलो ना. सरसोतीन ''कसो आसा?'' म्हूण विचारलें तेन्ना ताणें ''आसां, जितो; गांवाक नाका जावन, यमाकय नाका जावन'' अशें म्हळें. तिका वायट दिसलें. ''यम आमचे सारकेल्यांक; तुजे सारके पिरायेच्या भुरग्यांक न्हय'' म्हळें

तागेल्या उतरांतलो मार नागवेणीक होलमलो बगर रावता? त्या दिसा सांजे लच्चा तोंडा मुखार मेळिल्ल्या वेळार ''कित्याक तांच्या मुखार तशें उलोवचे? तुमचें मरण ह्या घरांतल्या कोणाक जाय जालां? तुमी तांचेकडेन उलोवपाचें उतर तें?'' म्हळें. लच्चाक राग आयलो. ''इश्टेटीचो मद चडिल्ल्यान तूं म्हाका शाणेपण सांगता? म्हाका बुद्द सांगपी तुजी केदी उचापत?''

. नागवेणीन तोंड गंभीर केलें. ''कित्याक, खंच्यान खंय पावतात? तांकां दुखोवचें न्हय म्हूण हांवे म्हळयार...''

''तूं घरची यजमान्न म्हूण हांव जाणां. ना जाल्यार त्यावेळार हांव अडचणेंत आसतना तीन-चारशीं रुपया धाडपाक जायनासतना म्हाका थंय रस्त्यार उडयलो आनी हांगा तुवें वनवास भोगलो. आतां पळय, तुका जाय जाल्ल्यांक काशी, रामेश्वर धाडून दिवन इतलो पैसो खर्च करपाक तुका मातय वायट दिसलें ना. अशें आसत तर हांवें यमाकडेन न्हय तर खंय वचप? हांवें तशें उलोवचे न्हय आशिल्लें. पूण भोगिल्लें संकट सगळें पोटांत भरिल्लें आसतना तोंड उगडनासतना कशें रावन!''

ह्या उतरांक जाप दिवपांत अर्थ ना म्हूण नागवेणी थंयसून गेलीच. सत्यभामा रागान तापली. ''तुगेलें तीन हजार रीण पावयिल्लें कांय न्हय. आमी यात्रे खातीर केल्लो खर्च तुगेल्या दोळयांत भरता. तुगेली बुद्द बरी आसल्यार अशें जातालें?'' म्हळें.

सरसोतीन ल्हवूच ''सत्या, ओगी राव. ताणें न्हय, तर कोणें उलोवप ह्या घरांत? मरपाक म्हयने दोन म्हयने म्हाकां उरल्यात. हें एक आयकून मरपाक जाय म्हूण ब्रह्मान बरयिल्ले आसतलें. तेंवूय आयकतां'' म्हळें.

आपणें काशीयात्रा केली आनी आपूण नागवेणील्या, अर्थात मनात नासतना लच्चाल्या रिणांत पडली म्हूण ते सांजे सरसोतीक खंत भोगली. आपणें अशें तांच्याच रिणांत आनी कितले दीस रावचें पडटलें काय म्हळो विचार आयलो. तिका तो विचार मनांत दवरप जमलें ना. तिणें नागवेणीक ''धुवे, सत्यभामेन हांगा रावप समा आसा. तिगेल्या घोवाली मिळकत ही. पूण म्हाका दुसऱ्या घरांत दिल्ली. लच्चाक हांवें हांगा रावप समा दिसना. फाल्यां सकाळी हांव मंदर्तीक वतां. आतां मरच्या वेळार थंयचे म्हाका भायर उडोवचे नात'' म्हळें. नागवेणीक संताप आयलो. आत्याल्या तोंडातल्यान असलीं उतरां येवचीं पडलीं! तिका वायट दिसलें. रागय आयलो. ''आत्या, ही कोणालीय गांठ न्हय. तांगेल्या

जाणट्यांनी तांका दवरिल्ली केन्नाच ना जावन गेली. हें घर आज अशें उरलां तें तुमकां लागून. तुमकां वच म्हणपी कोण? तांका जर हांगा रावपाक जाय अशें दिसता जायत तर ते ह्या उपरांत असलीं उतरां तोंडांतल्यान काडचे नात. ते नासतना पांच वर्सां काडलीं. पूण देड म्हयनो तुमी ना जाल्ल्याक म्हाका घर खावपाक उठिल्ले वरी जालें'' म्हळें.

सरसोतील्या दुखिल्ल्या मनाक समाधान दिवपाक जरी नागवेणी उलयिल्ली आसली तरी हीं उतरां तिणें घोवाक उद्देशूनच उलयिल्लीं. म्हातारेक ताजें वायट दिसलें. ''धुवे, तो कसोय आसलो तरी तुगेलो हात धरिल्लो घोव तो. ताका तशें म्हणचें न्हय. हांव आसतली, नासतली. पूण तुका ताजे कडेन वायटपण आसूंक फावना'' म्हळें.

लच्चाय थंय आयलो. ''तूं वकिलाली चली. कायदे बरी जाणा. जावं, तुगेल्या हकाच्या घरांत तूंच राव. हांव देशोधडीक वतां'' म्हळें. ते रातीं ताणें घरांत जेवण पसून घेतलें ना. तसोच गेलो. गेल्लो पयस न्हय, इश्टागेर. ओरटाक लच्चालें उलोवप बरे मानवतालें. शिवाय शेजारचो इश्ट. तागेर ताका आलाशिरो मेळ्ळो बगर रावता?

मुखार म्हयने दोन म्हयने मेरेन घरांत ताणें पांय दवरलो ना. गांवांतच रावन येतल्या-वेतल्याकडेन नागवेणीक कुसकीं उतरां सांगून धाडत रावलो. थोडीं उतरां नागवेणीलें काळीज चिरपी आसतालीं. 'नवो घोव मेळ्ळयार पोन्नो घोव खंय लागता' अशें म्हणपाकय तागेली जीब रावली ना. हाका लागून नागवेणीलें मन भंगले. रागा जागो संतापान घेतलो. पूण घोवाक परतें उतर मात तिणें धाडलें ना. सत्यभामा मात पुतालीं उतरां आयकून आयकून नागिणें भशेन चवताळिल्ली ''असलीं भुरगीं जावचें परस मेल्लीं बरीं!'' म्हूणय तिणें म्हळें. सरसोतीक काशीक वचून आयिल्ल्यान मनाक मेळिल्ली थंडाय लच्चाल्या प्रकरणाक लागून सामकीच ना जालीं. ''हांवें जितले बेगीन दोळे धांपत तितले बरें. पूण हें दक्षिणायन! सर्गाचें म्हाद्वार आतां बद उरता. मकर संक्रांत जावन मेल्यार जातालें'' अशें तिणें म्हळें.

''तशें कितें? मरण आमगेल्या हातांत नासता. पूण देव तुमकां केन्नाच वायट मरण दिवपाचो ना'' म्हूण सत्यभामेन म्हळें.

एक दीस ओरटालो धाकलो चलो आयलो. ''नागवेणीआम्मा ना?'' म्हूण ताणें विचारलें. तागेलो आवाज आयकून नागवेणी भायर आयली.

तागेलो आवाज आयकून सरसोतीनय ''कोण तो पुता?'' म्हळें. त्या भुरग्यान ''नागवेणी आम्माक एक घटकाभर आमगेर येवन वच म्हूण बाप्पान सांगलां'' म्हळें

नागवेणीन ''म्हजें थंय कितें काम आसा? हांव कित्याक?'' म्हळें. आयिल्ल्यान ''तें म्हाका खबर ना. तुमगेल्या घरकाराक धरून व्हरतात खंय'' म्हळें आनी सगळयांक गोंदळांत उडयलें.

सत्यभामेन ''तूं नाका, हांव वचून येतां. तूं रांदचे कुडींत नदर दवर'' म्हूण सांगून ती त्या भुरग्यावांगडा ओरटागेर आयली. थंय तिका वेगळेंच पळोवपाक मेळ्ळें. लच्चा सिविल कैदी जाल्लो. मलबारात घेतिल्ल्या एका रिणाक लागून ताका धरपाचें वॉरंट आयिल्लें. रिणाक जामीन दिवन सोडयना जाल्यार ताका बंदखणींत व्हरतले म्हूण कळ्ळें. बंदखणीचें नांव आयकून सत्यभामेलो आवरोच उडलो. ती धांवतच घरा आयली. ती खबर घरच्यांक सांगली. नागवेणी घोवाक जाल्लो अपमान कशी सहन करत? ''तो कसलोय जालो तरी

ताका बंदखणींत व्हेल्लें ह्या दोळयांनी कशें पळोवचें?'' म्हूण सरसोतीन म्हळें

नागवेणीनच थंय वचचें पडलें. मुखार कितें करप तें तांकां विचारून घेतलें. ओरटान ''ताणें केल्ले आठशें रुपय रिणाचे पयशे दिल्ल्यार लच्चाक सोडतात'' म्हळें. त्या वेळार दिवपाक तिजे कडेन हातात खंयचे पैशे आसतीत? बापायक कळोवन ते पाव मेरेन रावपाक जाता? निमाणें ओरटानच ते पैशे भरून ताका सोडोवचें आनी त्या पैशाबदला नागवेणीन कागद करून दिवचें म्हूण थारायलें.

सगळें प्रकरण सोंपोवन नागवेणी घरा आयली. ''कितें, कितें जालें?'' म्हूण आत्यान विचारिल्ल्याक सगळें सविस्तर सांगलें. ''हें एकच जाल्यार हरकत ना. पूण हाजे फाटल्यान कितले आसात कोण जाणा!'' म्हळो दुबाव तिका येतालो. एक रीण कशेंय पावलें. लक्ष्मीनारायण ओरटागेरच रावलो. ताज्या वांगडा केन्ना केन्नाय तो उडुपी यात्रा करूनय येतालो. ताकाय आपणाले विद्येचो ताणें प्रसाद दिवन जाल्लो. ह्या दोगांचो संबंद चड जायत वचून ओरटाले आवयल्या कानारय पावलो. तिका धस्स जालें. व्हडल्या पुताक तिणें तशें पत्र बरोवन कळयलें.

मकर संक्रांत आयली. भावाली करणी कळिल्ल्यान नरसींव भिवन गांवांत आयलो. विचारिल्ल्यांक आपूण कुलदेवाले जात्रेक आयलां म्हूण जरी सांगलें तरी तो आयिल्लो ओरटाक बुद्द सांगपाक; ताका लच्चाकडसून पयस दवरपाक. ''घरांतल्यानच कित्याक, खुद्द बायलेनच जाका भायर घाला, ताका तुवें घरात दवरून घेवचें?'' म्हूण नरसिंवान भावाक गवजी घाली. ओरटा हट्टी, तातूंत लच्चालो उपदेश घेतिल्लो. हाका लागून घरांत राविल्लो म्हयनो नरसिंवाक भावाकडेन झगडत काडचो पडलो. भावाकडेन घरचो वेव्हार दवरप ह्या मुखार बरें न्हय म्हूण नरसिंवाक दिसलें. हें ओरटाक कळळें. लक्ष्मीनारायणान ताका भावाकडेन वांटो मागपाचो कानमंत्र दिलो.

अशे तरेन शीनमय्यालें घर फुटपाकडेन पावलें. वांटे जावपाचो प्रसंग मुखार आयलो. पूण उरिल्ले भाव सगळे व्हडल्याभावा बाजून रावले. ओरटा वांटो घेवन बापायल्या घरांतच रावतलो म्हूण हट्ट घेवन बसलो. घरांतली आवयच ताजे आड रावली. ओरटालो आनीक एक भाव बेंगळूर साकून येवन तांच्या सगळयांल्या वांट्याक आयिल्ले बदीकाचो सांबाळ करपाक लागलो.

हें प्रकरण जाल्ल्यान लक्ष्मीनारायणाक एक उद्योग मेळळो. झगडीं, चाडी, फटी हांचो आधार घेवन दीस काडपाक वाव मेळळो. ओरटा वेगळो जाल्लो. ताणें नागवेणीकडसून येवपी पयश्यां खातीर त्रास दिवपाक सुरवात केली. तिणें बापायकडसून पैशे हाडून हो दंड भरचो पडलो. त्या दंडा फाटोफाट आनी दोनतीन वॉरंटां आयलीं. लच्चान बौरिंगपेटेंत हॉटेल घालतना केल्लें रीण, बळ्ळारींत केल्लें रीण अशी सगळीं रिणां एका फाटल्यान एक गांव सोदत येवपाक लागलीं. ते फाटीक लागले. बंदखणींत धाडपाचें भंय घालपाक लागले. नागवेणी घोवाक बंदखणींत घालपाक दिवची ना म्हूण जाणा जाल्ल्या रीणकारांनी आपणालें सादून घेतलें. ''तोंडान कितलेंय उलयलें तरी घोवाक कण्णानूर बंदखणींत धाडपाक जाता?'' म्हूण रीण पावोवन, घरांतले दागिने आनी जमयिल्ले पयशे सगळे सोंपून, निमण्या रिणा खातीर घर घाणाक दवरचें पडले. ते पावोवपा वेळार वासुदेवमय्या गांवांत आयले. लच्चाक आपोवन हाडून ''आमी रीण काडून हे तुगेलें रीण पावयतात. तुगेल्या जाणटेल्यांनी

करून दवरिल्ले सगळे पयशे सोंपले. हाजे मुकार तुवें रीण केल्लें आसल्यार ते आमी पावोवचे नात. तुजे सारक्यान बंदखणी भितर उरप आनी भायर उरप एकच. आतां तरी संभावीत जावन तूं घरांत पडून रावतलो जाल्यार, तुगेलें आरोग्य सुदारून घेवन घरांतल्यांक त्रास दिनासतना रावतलो जाल्यार हें रीण पावयतां. नासत तर तुवें गांवांत उरचे परस 'त्या गांवांत' आसपच बसें'' म्हळें.

संकटावेळार वेंकटरमणा म्हणटात तशें रीणकाराकडसून चुकपाक तो कोणालेंय आयकुवपाक तयार जालो. निमाणें ओरटाली चौकी सोडून आपणाल्या घरांतय आयलो. ''म्हजें नशीबच फुटकें. म्हाका लागून तुमकांय समाधान ना, म्हाकाय सूख ना'' म्हूण ताणें खंत परगटावनय जाली. मुखार ओरटागेर वचपाचें जरी सोडलें ना तरी घरांत धांदळ घालपाचें बंद जालें. नागवेणील्या आगऱ्याक लागून तो आपणाल्या आरोग्याकडेन लक्ष दिवपाक लागलो.

हालीं सरसोती दीस वतां वतां अशक्त जायत वताली. तरी पूण आपणालें काम ती दुसऱ्याक करपाक केन्नाच दिनाशिल्ली. वणत, खिडकी, बडी हांचो आधार घेवन तिणें हांगाथंय भोंवपाचें सोडलें ना. एक दीस तिका ''कितेंय जावं, लच्चाले ग्रहचार ना जावपाक एक शांती करून पळोवया. तागेलें जातक कळटल्याक दाखोवन पळोवया'' अशें दिसलें. सत्यभामेन चल्यालें जातक पळयतल्याक दाखोवन हाडलें. ''हो साडेसाती शनीचो त्रास, सुटपाचो योग आयला, आतां सुट्टलो. सोडपावेळार एक चंडिका होम आनी पावन शांती करून चार ब्राह्मणांक वाडल्यार मुखार बरें जातलें म्हूण आपणाक सांगलां'' म्हूण तिणें घरा येवन कळयलें.

नागवेणीक आशा दिसली. जाणट्यान सांगिल्लें उतर, जातकाचें फळ, हें सगळें एकच सांगता म्हणटकच तिणें होमाची वेवस्था केली. लच्चान शांती खातीर भटांक आपोवन हाडले. जाय ते दीस मेरेन एकठांय बसलीं नाशिल्लीं घोव बायल शांती वेळार एककडेन बसून शास्त्र विधी करतालीं. तेन्ना लच्चाकडेन बसपाक तिगेलें मन तयार नाशिल्लें. पूण हात धरिल्ल्याचें बरें जावपाचो वेळ येता जाल्यार आपणें एक आडखळ जावची न्हय म्हूण जाता तितलो तोंडार हांसो हाडत ताजे बरोबर अनवाळें न्हेसून ती बसली. त्या दिसा आयिल्ले भट पोट भरून जेवन तांकां आशीर्वाद दिवन गेले.

त्या दिसासाकून लच्चानय तोंड हांसकुरें दवरलें. नागवेणीलें मन जिखपाक कशें वागपाक जाय तशें तो वागलो. म्हयनोभर तागेली घरांतली वागणूक पळोवन, ताजेर बेजारिल्ले सत्यभामेनय ''पुता, देवान तुका ही बुद्द आदींच दिवपाची न्हय?'' म्हूण म्हणची पाळी आयली. घरांत कोणें ताका दुखयलें ना. शांती केल्ल्या वर्सा ताणेंच जावन ''कितेंय जांव, ह्या वर्सा एक मुडी शेत तरी रोवपाक जाय'' म्हळें आनी उत्साहान तो कामाक लागलो.

पावसाळोय सावकाश आयलो. लच्चान पैलेच पटी रोयिल्लें शेत पाचवे दिसपाक लागलें. तितलेंच पाचवेंचार मन घरभर भरिल्लें. लच्चा सामको आपलेपणान घरांत वागतालो.

एक दीस रातीं पावसाक लागून खांकत लच्चा चौकेर न्हिदिल्लो. जेवण सगळें जावन सगळ्यांनी न्हिदपा वेळार ''नागवेणी, तुका त्रास जावचोना जायत तर सूंठ आनी मिऱ्याकण घालून इल्लो कसाय करून दी. खूब थंडी आनी खांक! फाल्यां आनी चड जावची नाका'' म्हळें. ''इतली भीड कित्याक करप!'' म्हूण नागवेणीन म्हळें. थंडे कसाय रोखडोच तयार

जालो. तो घेवन लक्ष्याकडेन गेली. थंयच बसून उलोवपाक लागली. लक्ष्या कसाय पिलो. ताचे तीखसाणेन ताका खिळण्यो आयल्यो. शेत कशें करप हाजीं सपनां रंगोवन तो तिका सांगपाक लागलो. उलयतना ताणें सावकाश हातान पोरशीत नागवेणीलो हात सोदून काडलो. तो धरलो. "कितले दीस जाले, नागवेणी, तुवें म्हजो हात सोडून?" म्हळें. तागेलो आवाज थरथरतालो. त्या स्पर्शान नागवेणी अजापली. हे पटी घोव आयिल्लो तेन्ना साकून ताजो सांगात तिका रातचो घडलो नाशिल्लो. ती याद आयल्यारच ती थरथरताली. पूण आज कोण जाणा, जीव ताका पयस धुकळपाक शकलो ना. घोवालो सहवास तिका नाका आशिल्लो तर? जाय आशिल्लोच. आपूण घोव आसून विधवेभशेन अशें तिका केन्नाकेन्नाय दिसतालें. पूण परिणामाचे भिरांतेन थरथरताली. शिवाय तेविशीं बापायन दिल्ली खर शिटकावणीय येवजताली. पूण तन्नी पिराय...! कुडे भुकेन खूब दिसां उपरांत तिका पिशें केलें. वेळ सादत आशिल्ल्या तिगेल्या घोवाक ती वश जाली. तिज्या वांट्याक तो दीस नवी भिरांत घेवन आयलो.

मुखार जाय ते दीस सोंपले. आपणाक 'लग्नावेळचेच दीस मेळ्ळे; घरांत आयिल्लो शनी गेलो' अशें तिका दिसपाक लागलें.

त्या वर्सा शेत वायट जालें ना. लक्ष्यान केल्ल्या शेतांतल्यान घर भरून भात आयलें. पूण ताणे "दर वर्सा इतलें आंगार घेवचें न्हय. नांवाक एक दोन मुडी शेत रोयल्यार पुरो. हें पुरो जावपाचें काम" म्हळें. भाता रास भायले चौकेर येवन पडिल्ली. आंगणांत चार वांव उंचायेचे तणा गोणमे तयार जाल्ले. दिवाळे दिसा घराचे चारीवटेन पणट्यो पेटल्यो. पाडव्या दिसा नागवेणीन आत्याक एक वेगळी खबर दिली. "तुमी कितें म्हणटात कोण जाणा; मुखार कशें जातलें कळना! म्हाका परतून दीस गेल्यात" अशें सांगतनाच ती थरथरताली.

"धुवे, देवान शनीक धावंडायिल्ल्यान अशें सगळें घडलें. ताकाय बरी बुद्द आयली. देव मुखार बरें करतलो. तूं कसलीच चिंता करनाका" म्हूण आत्यान म्हळें. नागवेणीन हुंदकेत "तुमगेले पुण्यायेन तरी म्हाका आवय जावन जगपाचें भाग्य मेळूं" म्हूण म्हळें आनी जाणटेलेच्या पांयांक हात लायत सकल आडवी जाली. ल्हान भुरग्यांक पोरशितात तशें तिगेल्या तोंडाक आनी आंगाक पोरशीत "धुवे, देवा कडेन माग. तो मना सारकें करतलो" म्हूण सरसोतीन म्हळें.

"म्हजो देव तुमीच" नागवेणीन म्हळें. सरसोतीक संकोच दिसलो. "म्हाका वय चड जालां म्हूण तशें म्हणटा? चिंचे बोड्ड्याक पिराय जायना? तशें म्हजें आतां एक दीस दोळे धांपल्यार जालें. पयर उत्तरायणांत तागेलें आपोवणे आयले अशें दिशिल्लें. पूण आयलें ना. मकर संक्रांत सोंपल्यार पुरो" तिणें म्हळें.

"मकर संक्रांत जावपाक जाय; हांवें बाळांत जावपाक जाय. म्हगेल्या भुरग्याल्या तोंडांत तुमी एक चिपट दूद घालपाक जाय."

"देव करतलो धुवे" म्हातारेन म्हळें. असो देवाचेर विस्वास आनी कोणाक आसत?

संक्रांतय आयली. दुसऱ्या दिसाच सालीग्रामची जात्रा. तांचो सगळयांगेलो सालीग्रामचो नरसिंवच कुलदेव. सरसोतीन लक्ष्याक आपोवन, "पुता, नागवेणीक सावकाश चमकयत व्हेल्यार जाता. पूण तुवेंच देवळांत व्हरून नाल्ल प्रसाद घेवन येवपाक जाय" म्हळें. लक्ष्याक देव, धर्म बी सगळयांचेर तितलो पुरतोच विस्वास. तरी ताणें 'जायत' म्हळें. तो आवय

आनी बायले वांगडा जात्रेक वचून नाल्ल-प्रसाद करून आयलो. नागवेणीन आपणें हाडिल्लो प्रसाद सरसोतीकय दिलो.

ह्या सगळ्या बऱ्या वांगडाच लच्चान ओरटागेर वचून येवप, ताका तागेल्या भावा आड लावन घालप, हीं कामां मात चलत आशिल्लीं. निमाणें एक दीस ओरटान "लच्चण्णय्या, म्हाका हो गांवच बऱ्याक पडना. हांगा घरांत बसल्यार ही बदीक चार दीसय पुरो जावची ना. भावान हॉटेल आपणाल्या चार जाणांल्या वांट्याक घेवन थंय पयसो जोडत आसतना हांवें मात गांवांत पडून कित्याक रावपाक जाय? शिवाय ताणें मैसूरांतय एक नवें हॉटेल सुरू केलां. थंय बरो वेपार जाता खंय. हांव हांगचें शेत कोणाक तरी गेणीक दिवन मैसूरा वचून म्हजें एक हॉटेल सुरू करतां" म्हळें. "तेंच समा" म्हूण लच्चानय म्हळें.

त्या वैशाख म्हयन्यांत कोडींत दोन नव्यो खबरो लोका मेरेन पाविल्ल्यो. एक ओरटान गांव सोडिल्ली खबर; दुसरी णव म्हयने भरचे पयलींच नागवेणीक चलो जाल्ली खबर. ओरटा आपूण एकटोच मैसूरा गेलो. थंय भावाल्या 'श्री रामा रेस्टॉरेंटा' सामखाराच 'दिल्ली दरबार रेस्टॉरेंट' काडलें. आपणाले हे सगळे करामतीविशीं केन्ना केन्नाय लच्चाक कागद बरयत तो आसतालो.

बाळांतपणाक आवयगेर वचपाची नागवेणीक इत्सा नाशिल्ली. सरसोतीन आगरो केलो. 'घरांत कोण आसा? हांवें वचप बरें न्हय" अशें नागवेणीन म्हळें. पूण म्हयने जावचे पयलींच पिडा सुरू जाली. तिजें आरोग्य बाद जाल्लें. तरी देवा दयेन अपाय नासतना बाळांत जाली. चलो जालो. तो आंगान दुबळो आशिल्लो. नागवेणीन ताका पयलीं पळयलें तेन्नाच हो जगत काय ना म्हळ्ळो विचार तिका सतावपाक लागलो. पूण हें तिणें उलोवन दाखयलें ना. तिगेल्या बाळांतरावेळार सेवा करतल्यांची अडचण जरी नाशिल्ली, तरी बाळांतपण चड त्रासाचेंच जालें. कुकुल्याक आवयलें दूद मेळ्ळें ना. सत्यभामेन आंगार घेवन वात दुदात बुडोवन ती तोंडात घालून ताका वाडोवचें पडलें. नागवेणीक हें काम करपाक त्राण नाशिल्लें. लच्चान चार पांच पटी उडुपी वचून तिका जाय तें वखद बिखद हाडून दिलें. तोंडान बरो उलोवनय समाधान दितालो. पूण त्या दिसांनी तागेलें मन मात घरांत आसा अशें दिसनाशिल्लें.

भुरग्यान तीन म्हयने काडले. तागेलें पोट व्हड जरी दिसलें तरी हेर कसलेंच वायट नाशिल्लें. मे रजेंत वकील धुवेगेर आयिल्ल्या वेळार, धुवेक खंयचो खंयचो उपचार करपाक जाय तें आपणें समजून घेवन हेरांकय सागलें. जाय आशिल्लें वखद बी आपणेंच हाडून दिलें. "नागवेणी, तुवें शक्त येवपाक वखद घेवपाक जाय" म्हूण आगरो केलो. आस्पत्रेंतलें भश्टल्लें वखद दिवपाक आत्या तयार जायनाशिल्ली. पूण वकील सांगता आसतना, नागवेणीलें एकलें एकसुरें भुरगें जगपाक जाय आशिल्ल्यान, देवाली तशीं इत्साच आसा आसतली म्हूण ती समजली. लच्चाकय आपणावेली जापसालदारकी उणी जाली अशें दिसलें.

नवरात्र यो मेरेन भुरगो आंगान जरी भरलो ना तरी हेर बाबतींत तो समा आशिल्लो. सत्यभामेन ताका बरे तरेन काळजेन सांबाळिल्लो. पूण नागवेणील्या मनांतलो भंय तसोच उरलो. मदीं मदीं "आत्यान देव राखता म्हळां, तो राखतलो" म्हूण समाधान ती मानताली.

हालीं तिका चल्याल्या विचारा परस घोवाविशीं चिंता चड जावपाक लागिल्ली. लच्चाल्या

तोंडावेलो हांसो दिसान दीस उणो जाता अशें तिका दिसतालें. तो सदांच बाविल्ल्या तोंडान उलयतालो तें दिसतालें. पूण तो रागान उलोवपाक पावनाशिल्लो. तागेलो उदासीन भाव तोंडार पळोवन "कित्याक अशें आसतीत?" म्हळ्ळो विचार तिका आयले बगर रावनाशिल्लो. फाटल्या सात आठ म्हयन्यांत दिसपी उत्साह, नमळताय क्रमी कित्याक जाल्या हें तिका कळ्ळें ना. एक पटी धैर्य करून "अशें कित्याक थंड दिसप?" म्हूण विचारलें. लच्चान जाप दिली ना. तीन चार पटीं तोच प्रस्न विचारतकच "कसली ही म्हजी जीण! बोडकेली जीण!" म्हळें.

"तशें म्हळयार कितें?"

"दुसऱ्यालें तोंड पळोवन जगपी जीण! शिकून बिकून म्हजें पोट हांव भरपाक शकना म्हळयार..."

"तुमकां हांगा कितें उणे आसा? हें तुमगेलें घर न्हय तर?"

"घर म्हजें? गांवांतल्यांनी उलयिल्लें आयकल्यार घटके घटकेक 'म्हजें काय?' अशें दिसतच आसता!"

"अशें म्हळयार कितें?"

"सदांची पेज पडपाक जाय जाल्यार बायलेलें तोंड पळोवपाक जाय असली जीण; असल्यान जगप कित्याक म्हूण म्हणटात लोक. तें आयकून पुरो जालें!"

मुखार तीय उलयली ना. तशेच कांय दीस गेले. एक दीस लक्ष्मीनारायण चल्याक घेवन खेळयत आशिल्लो. "नागवेणी, चल्याक नांव दवरचें नाका? 'पोरा' म्हूण आपोवप कितें बरें दिसता? पोर काय कितें तो? आतां नांव दवरचें नाका?" म्हळें.

"नांव दवरया. गोमटें नांव पळयात. तें जल्मदिसा दीस दवरया. गडबड कित्याक?" म्हूण नागवेणीन म्हळें.

"ताका नांव दवरिल्लें पळोवन, उपरांत खंय तरी वचूंया म्हूण म्हणटां."

"म्हाका सोडून वतले!" तिणें म्हळें.

"तुका सोडून वचपाची म्हाका इत्सा ना. भायर हांवें सुख मेळोवचें तितलेंच आसा. तरी पूण म्हाका जेवपाक जाय तितलें तरी हांवें मेळोवपाक जाय. म्हज्या शिक्षणान कितेंय मेळोवन हांवें जगपाक जाय. म्हगेलो एक मेवणो वकील जालो; दुसरो वैद्य जालो. म्हजे वांगडी बऱ्या बऱ्या जाग्यार पावले. हांव मात असो अंतरपिशाची जालां. अशेंच उरल्यार चड दीस म्हज्यान रावपाक जावचें ना" ताणे म्हळें.

"चार दीस थांबा" तिणें म्हळें. ते चार दीस नागवेणीलें मन विचारांत बुडिल्लें. पावसाळ्यांतय हुंवारान समुद्रांतली पाळां तितलीं खवदळनात. भावनाय उसळून तश्यो शिंवरनात. तिगेल्या विचारसागरांत पाळांचेर पाळां येतालीं. चार दीस सोंपल्या उपरांत लच्चाकडेन तिणें म्हळें. "म्हजे खातीर हें बदीक हांवें दवरून घेतलें ना. तें परतून हांव तुमगेल्याच नांवान करतां. तुमगेल्या मनांतली चिंता म्हाका कळटा. तुमी बेजारांत आसल्यार म्हाका कसलें सुख मेळटलें?"

सालिग्रामची जात्रा सोंपतकच एक दीस बरेच हुशारकायेन लच्चान नागवेणीक उडुपीक आपोवन व्हरता म्हूण सांगून, ब्रह्मावराक वचून, तिगेल्या नांवान आशिल्ली जमीन आपणाल्या नांवान करून घेवन आयलो. नागवेणीन ही खबर कोणाकच कळयली ना.

लच्यानय हे विशीं कोणाकडेन तोंड उगडलें ना. "कृष्णदेवालें दर्शन घेवन आयलीं आसतलीं" अशें सगळ्यांक दिसलें.

मुखार गिमाचे दीस आयले. "पोरा" क वर्स जालें. त्या चल्याक नांव कितें दवरचें म्हूण चर्चा सुरु जाली. "चार जाण ब्राह्मणांक आपोवन जेवण घालून ताका आज्यालें नांव दवरया" म्हूण सरसोतीन म्हळें. सत्यभामेन 'तेंच बरें' म्हळें. मांवालो आपणावेलो मोग जाणा जाल्ल्यान नागवेणीकय तांचेंच नांव दवरचें दिसलें. लच्याक बापायचेर राग जरी आशिल्लो तरी सरसोतीली सुचोवणी ताणे मानली... वाडदिसा दीस नांव दवरलें. राम ऐताळाल्या आत्याक नातवाल्या नांवाक लागून शांतताय मेळ्ळी आसत.

तें नांव दवरिल्ल्या एका म्हयन्यान ओरटामय्या मैसूरसाकून आयलो. आपणालें 'दिल्ली दरबार हॉटेल' सुरु जाल्ल्याक जाय ते दीस जावन, हॉटेल बेस बरें चलता आनी आपणाल्या हॉटेलाक लागून व्हडल्या भावाल्या हॉटेलांत एक मूसय वचना म्हूण तो बडाय मारतालो. ताणें येवन केल्लें काम म्हळ्यार दिल्ली दरबार हॉटेलाचें बेंगळूरात ब्रँच काडपाक आपणाली जमीन घाणाक दवरून रीण काडपाचें. लच्याक आपणाले जमनीचेर आतां परतून अधिकार मेळिल्लो. ओरटाले येवजणेन ताकाय नवी उमेद आयिल्ल्यान आपणें तागेलो वांटेकार जावप म्हूण ताणें थारायलें. दोगांनीय मेळून हाजेर बरोच विचार केलो. लच्यान आपणाले इश्टेटीची नवीदाद ताका सांगली. ताकाय आपणाले येवजणेक रूप दिवपाक कोणालोय आधार जाय आशिल्लो. अशे तरेन दोगांनीय मेळून ह्या कामाक हात घालचो आनी एकट्यान मैसूरचें हॉटेल, जाल्यार दुसऱ्यान बेंगळूरचें पळोवचें म्हूण थारायलें.

भायले भायर ठरयिल्ली ही खबर नागवेणील्या काना मेरेन पावली ना. खबर पावल्यार घरांतलीं म्हातारीं कोतारीं आड येतलीं हें तो जाणा आशिल्लो. "हांव उडुपी वचून येतां. चार पांच दीस थंय रावन वखद विरसद करून परतो येतां" म्हूण निमित्त सांगून घरांतल्यान तो भायर सरलो. वचपा वेळार रामाक घेवन अपुरबाय करून "रामाक उडुपींतल्यान कितें हाडपाक जाय?" म्हूणय विचारून गेलो.

सप्तक सोंपलें. पंद्रशी जाली. लच्यालो पत्तो ना. सरसोतीक लच्याली खूब काळजी जाली. सत्यभामेन "ती सुण्या शेंपडी" म्हळें. पूण त्या दोगांक तशें दिसलें ना. तांणी "तो येतलोच" म्हूण धरलें. तितल्यांत वर्सभिशेन नरसिंव गांवांत आयलो. भावालो सगळो कारभार तो जाणा आशिल्लो. आयलो तसो तो हांगेरय आयलो. थंय ताजे मुखार लच्याली खबर आयल्या बगर रावता? "तो म्हज्या भावा वांगडा हॉटेल काडपाक बेंगळूरा पावला. इतलीं हॉटेलां काडून दुडु मेळयला म्हूण आनीक हॉटेल घालपाक पावला काय? आमगेल्या ओरटाक म्हाका बुडोवपाक जाय म्हळ्ळो हट्ट आसा" म्हळें. तें आयकून सरसोतीचो आवरोच उडलो.

नागवेणी ओगी रावली. तिणें आपणाल्या चल्याक हातांत घेवन दोळ्यांत उदाक काडलें. निमाणें आत्याकडेन येवन "हांवें म्हज्याच हातान चल्या तोंडांत माती घाली! ते अशे फटयतले म्हूण सपनांतय येवजलें ना" म्हळें आनी आपणाल्या हातांतल्यान जमनीवेलो अधिकार गेल्ली खबर सांगली. तांगेलें दुःखच उज्या भशेन तापदिणें जालें. मुखाल्ली वाट दिसनासतना तांणी तिगेल्या सानबाप्पाक आपयलें. ते नागवेणीचेर रागान पेटले. "नागू, म्हजेकडेन एकच एक उतर सांगनासतना अशें केलें?" म्हळें. नागवेणी हुंदकेवन रडली

शिवाय जाप दिवपाक तिका जालें ना. नारायणमय्यान सगळें समजून घेवन तिजे खातीर बेंगळूराकय गेलो. थंय जाय त्या जाणां कडसून लद्याक चार बुदवंतकायेचीं उतरां सांगून पळयलीं. ताणें तांकां एकच उतर दिलें. "म्हजी इश्टेट आसतनाय, तुमगेले चलयेले पांय धरपाचो प्रसंग तुमी म्हजेर हाडिल्लो न्हय?"

○

19

ल्हानसान अडचणी आयल्यारय सत्यभामा भिवन गुळी जाता. आतां पुतान परतून हाडिल्लें संकट तिका सहन जायना जालें. सून घोवाल्या कारस्थानाची बळी जावन आपणाल्या पांयार आपूण जावन फातर घालून घेत अशें तिका दिसलें नाशिल्लें. तिका नागवेणीचेर सामकोच राग आयलो. "तागेल्या नशिबांत कितें आसा तें तूं जाणा आसतनाय घरांत म्हातारखोकीं जावन पडिल्ल्या आमकां एकच एक उतर सांगनासतना तुवें अशें कित्याक केलें? फाल्यां हे घर कोणाक तरी विकून, आवय, आत्या म्हूण विचार करनासतना सगळयांक भायर रस्त्यार उडयले बगर तो रावत? मरच्या वेळार आमगेली ही अवस्था जावपाक जाय?" म्हूण तिणें म्हळें. सरसोतीन बशिल्ले कडसून "त्या पोराक कित्याक त्रास दिता? ग्रहचार वायट येवच्या वेळार कोणाकय अशेंच जाता. ती कितें करतली? तागेली वागणूक पळोवन आमकांय भरवंसो दिशिल्लो; जातकात आशिल्ल्याचेर विस्वास दवरून आमीच तागेली तोंखणा केल्ली. तें पोर कितें करतलें!" म्हळें.

तरी सत्यभामेक समाधान जालें ना. रातभर तिका वायटच सपनां पडलीं. ह्या घरांतल्यान आपणाक कोण तरी खोंट मारून धांवडायतलो म्हळळी भिरांतच दिसपाक लागली. दुसऱ्या दिसा सकाळीं तिणे "तुमकां वायट दिसल्यारय जायत, ह्या भुरग्या तोंडाकडेन पळयल्यार ताच्या मुखार आशिल्ल्या संकटाची म्हाका सुलूस लागले बगर रावना. चार दीस हांव सुब्बीगेर वचून तरी पडटा. त्रास काडपाकय एक शीम आसता न्हय?" म्हळें. त्याच दिसा, म्हाताऱ्या सुराक आपोवन हाडून ताका घेवन ती मंदर्तित धुवेगेर गेली.

आतां घरांत नागवेणी, सरसोती आनी राम मात उल्लीं. नागवेणीक आपणालें पिशेपण येवजून लज जाली. वायटय दिसलें. पूण कसलोच उपाय नाशिल्लो. आतां आपणालो घोव कांय घरांत येवचो ना; आयलोय जाल्यार सगळें सोंपल्या उपरांतच येतलो म्हूण दिसलें. सरसोतीक पयलीं मातमात दिसतालें जाल्यार आतां ती सामकीच कुड्डी जाल्ली. चोरडाक हातांत घेवन खेळयताली. मदीं मदीं नागवेणीक आपोवन "धुवे, विचार करनाका. देवान दिल्ले भोग मनशान चुकोवपाक जायनात" म्हूण तिका समाधान सांगताली. नागवेणीक हे विशीं उलोवपाक तोंडच नाशिल्लें. तिगेल्या मनांत एकच विचार घोळटालो- "जगप कित्याक? हो चलो व्हड जावन आपणालें पोट भरपाक लागमेरेन नरक यातना भोगपाक? ताकाय तें त्रासाचें, म्हाकाय तें त्रासाचें. एक खेप हे जिणेचो सोक्षमोक्ष जाल्यार सगळयांक सूख" म्हूण तिका दिसतालें. पूण सरसोती खातीर जीव धरून रावपाक जाय अशें दिसलें. तिगेल्या मरणाची घटका येवपाची वाट पळयता अशे तरेन ती जगताली. एक दोन पटी उलोवण्यांतय हो विचार आयलो. "आत्त्या, आमचे सारक्यांनी आसपय सारकें, मरपय सारकें!" अशें म्हणत नागवेणी रडली. हे विचार आयकून, सरसोतीन आपणाक याद जाल्ली नळाली खबर सांगली. नागवेणीन "आत्त्या, आमकां कितेंय जाल्यार जाता; पूण ह्या

चल्यान रस्त्यार मागत जगपाची वेळ येत म्हूण भंय दिसता. जांणटेल्यांनी मेल्या उपरांत सर्ग पळयले. पूण हाका हांगा जिवंत नरक मेळळें'' म्हळें.

तिगेलें उतर फट जालें ना. तांगेलें घर आनी जमीन येता त्या मोलाक लच्चान विकून उडयिल्ल्याची खबर तीनच म्हयन्यांत आयली. उडुपिंतल्या एका गिरेस्ताक ती सगळी विकून, पयशे घेवन लच्चान रोखडोच गांव सोडिल्लो. घेतिल्ल्यान बोवाळ करनासतना सात-आठ म्हयने जाले नंतरच सवकासायेन नागवेणीक नोटीस धाडली. तांगेलें घर आनी जमीन आपणाल्या ताब्यांत दिवपाक जाय म्हूण तातूंत कळयिल्लें.

त्या दिसा नागवेणीन एक कणय तोंडांत घेतलो ना. चल्याक इल्लें दूद दिवन, जाणटेले कडेन खेळपाक सोडून सानबाप्पागेर ती धांवत गेली. सानबाप्पान उडुपी वचून, तांगेली जमीन विकत घेतिल्ल्या कडेन उलोवणीं केलीं. हांगेली दया माया तांकां कित्याक पडल्या? ''हांवें मेजून आठ हजार रुपया दिल्यात. थोडे पयशे न्हय'' म्हूण तांणी म्हळें. ती जमीन परतून विकत घेवपाचो यल करूनय ताजो उपयोग जालो ना. निमाणें भावले धुवे खातीर आपणाल्या नांवान राम ऐताळालो घरा जागो आनी तीन मुडीचें शेत मूलगेणीक करून घेवन नारायणमय्या आयले. तशें तांणी मूलगेणीक दिवप म्हळयारय एक व्हड उपकार न्हय?

नारायणमय्यान म्हातारे मुखार येवन बसत ''अशें सगळें जालें. शेतांत काम करून आतां घोळून खावपाचो वेळ आयलो. म्हज्यान जाता तो आधार हांव दितां. पूण फुलां विकतल्याचेर तण विकपाची पाळी आयिल्ले भशेन जालें'' म्हळें. सरसोतीकय वायट दिसलें. ''पुता, देवान म्हजे दोळे धांपल्यार तिका तिगेलो बापूय तरी पोसत. त्या मगेल्या अण्णालो हो एक नातू व्होड जाल्यार आवयल्या तोंडांत इल्लो पेजे निवळ तरी घालतलो म्हळ्ळो भरवंसो म्हाका आसा. बापायलें दुश्टपण हाका येवपाचें ना. तो वेळमेरेन हांव खंय कोण जाणा! पूण हांव आसा मेरेन, तिणें भीक मागिल्ली म्हज्यान पळोवपाक जावची ना. हे गेणीचे करून ह्या चोरडाक सांबाळून, गेण दिवन, जगप कशें!'' म्हूण तिणें म्हळें.

''आमी सगळे नात? तुमकां आमी पळयले शिवाय रावतले? तुमगेल्या घराचो आस्रय तुमकां चुकचो न्हय, गेण दिवन तरी हे सांवळेंत रावपाक तुमकां मेळचें म्हूण गेणीक करून घेवन आयलों. मूलगेणीक नाका जाल्यार जाय तेन्ना सोडपाक जाता... म्हज्या वांगडा येवन सोडा... तुमी तीग जाण म्हाका जड जावपाचीं नात'' म्हळें.

सरसोतीन नागवेणीक आपोवन ''धुवे, सानबाप्पा कितें सांगता तें आयक. तूं चोरडाक घेवन थंय वच. ना जाल्यार बाप्पायगेर तरी वच. कशें जालें तरी हें रामालें घर न्हय? आमी दोगांय जाता तितले दीस हांगा रावन कशेय दीस धुकळटात. दोगांय काशींतच राविल्लीं जाल्यार पुण्यक्षेत्रांत मरण तरी येतालें. आंता तेंय ना'' म्हळें.

नागवेणीन सानबाप्पाक ''तुमी वचात. आतां कांय गडबड ना. गीम पर्यंत पुरो जावपा इतले तांदूळ आसात. मुखार बाप्पा येतलो तेन्ना मुखाल्लो विचार करचो'' म्हळें आनी तांकां घरा धाडून आपूण रडत बसली. तो भुरगो आवयल्या दोळयांत उदाक पळोवन आपूणय रडलो. ताका भूक लागली आसत म्हूण तिळसांजे वेळार थोडी पेज शिजयली. सरसोती राती जेवची ना. आपणाकय जेवण नाका. पूण त्या धाकटुल्याक वळवळे नाकात म्हूण ताका जेवयलें. एक चिमणे दिवो पेटोवन त्या उजवाडांत जमीन झाडून हेवटेन तेवटेन दोन

शेंदऱ्यो पातळावन मर्दी भुरग्याक न्हिदयलें. आपणें न्हिदचे पयली आत्याल्या हाताक धरून तिका न्हिदोवन आपूणय न्हिदली. त्या दिसा तिज्या तोंडांतल्यान एकय उतर फुटलें ना. म्हातारीय उलयली ना.

दोन तीन दीस अशेच सोंपले. एक दीस सांजे वेळार वासुदेवमय्या धांवतच घरा पावले. भावाले कागद ताका पाविल्लें. धुवेलें घर वचून सगळीं अनाथ जाल्ली खबर तांकां मेळळी. कितें करचें तेंच कळनासतना आपूणच कोडीक आयले. आतां तांचोय संसार वाडिल्लो. पोरां-तोरां म्हूण घरभर लोक जाल्ले. येणावळीपरस उणो न्हय तितलो खर्च मंगळूरांत आसा. तरी ना म्हळळी खंत येवपाक दिनासतना संसार चलयताले. अशें आसतना आनीक तीन वो चार जाणांलो भार घेवप तांकां सोपें न्हय आशिल्लें. पूण घेतले बगर वाट नाशिल्ली. तेंच उलोवपा खातीर ते धुवेकडेन आयिल्ले.

नागवेणीन "कोणें, सानबाप्पान तुका येवपाक सागलें? हांवे सांगिल्लें "गीम मेरेन कसली अडचण ना. मुखार रजेंत आयिल्ल्या वेळार उलयल्यार जालें म्हूण. सानबाप्पान कागद घालपाक गडबड कित्याक केली?" म्हळें. वासुदेवमय्या हांसले. "धुवे, तुका कळटा कितें? ह्या चोरडाक घेवन, म्हातारेक सांबाळून, मांय वांगडा आसतना गेणीक शेत करून तुका पोट भरप साध्य जायत? तुगेली मांय धुवेगेर रावतली जाल्यार, तुमकां दोगांक घेवन हांव वतां. जाय जाल्यार आजीबायेक हांगा सानबाप्पागेर दवरपाक जाता. तूं आनी चलो मंगळूरा येयात. हांवें आपयिल्लें तेन्ना आयल्यार हो गोंदळ जायनाशिल्लो" म्हळें.

नागवेणीलें तोंड उतरलें. सत्यभामेली जापसालदारकी घेवपाची इत्सा बापायक ना हें तांच्या उतरावेल्यान कळटालें. सरसोतील्या उतरांवेल्यान "हांव हांगाच मागून खातां. म्हज्या रामाल्या आंगणांत जीव सोडटां" म्हळळो आशय दिसतालो. 'हांव बापायचें घर सोडून दुसऱ्या घरांत आयिल्ली बायल. त्रासांक भिवन, आतां मेरेन एकठांय आशिल्लो घोगेर सोडून हांवें कुळाराच्या आस्रयाक वचप? तेंय दोगां म्हाताऱ्यांक सोडून?' म्हळळो विचार नागवेणीक सतावपाक लागलो. हेर खंयचोय विचार तिजेर परिणाम करना जालो. बापायलो उपदेशय फळाक आयलो ना. तिणें रांदलें आनी बापायक वाडलें. वाडटना "तूं गिमांत पावतलो तेन्ना कितें तें सांगतां" म्हळें. तेन्ना बापायन धुवेलें तोंड पळयत "धुवे, थंय न्हिदला ताका पळय. ताका दोन वर्सां मात जातात. ताणें ताज्या पांयार उबें रावपाक आनीक वीस वर्सां तरी जाय. ताजो विचार करून पळय" म्हणत चल्या कडेन बोट दाखयले. आत्त्याक ह्या वयांत दुसरें खंयचेय घर समा जावचें ना म्हूण नागवेणी जाणा आशिल्ली. शिवाय सानबाप्पाली बायल मातशी कडक आसा. तिगेल्या स्वभावाक लागून सानबाप्पाल्या व्हड मनाचो कांय उपयोग जावपाचो ना हेंय ती जाणा आशिल्ली. 'आतां मेरेन हांगा दीस काडले. आतां कित्याक ही सावळी सोडप?' म्हळळो अभिमानय मनांत आशिल्लो. हाका लागून नागवेणीन "आतां कांय करचें नाका" म्हूण बापायक सांगलें.

"हांव आतां घरा वचून नारायणाकडेन उलोवन फाल्यां परतून येतां. म्हाका कोर्ट चलतना मंगळूर सोडून रावपाक जायना. हांवें सांगिल्ले भशेन फाल्यां वचपाचे तयारीन राव" म्हूण ताकीत दिवन ते गेले.

नागवेणीन आनी सरसोतीन खूब चर्चा केली. "तुगेले मांयन खंय रावप? ती आतां धुवेगेर गेल्या. पूण फाल्यां तिणें येवचें नाका? येवपाक जाय न्हय? आयल्यार तिणें

तिगेल्या बापायगेर वचप? म्हजी खबर सोड. म्हाका हीच सुवात पुरो. मेळटा तागेर वचून मरणा वाट पळयत हांव लोकागेर पडून उरची ना'' म्हूण सरसोतीन सांगून आपणाली एक इश्टीण दुसरी गत नासतना आपणाल्या नात्याच्यागेर रावन सगळयां कडसून उलोवन घेत, अर्थ नाशिल्ली जीण जगत मेल्ली खबर तिणें सांगली. नागवेणी उलयली ना. मध्यान रात जाली. न्हिदल्यार तिका न्हीदं येना जाली. हातुळणार बसली. सामखार शांतपणान न्हिदिल्लो चलो दिसलो. ताका पळोवन ती हांसली. दुसऱ्याच खिणाक दोळयांतल्यान दुकां गळळी. ''रामा, आजो तुजो सांबाळ करतलो. सकाळीं येतलो, तुका घेवन वतलो'' म्हूण तागेलें आंग पोरशिलें.

तशीच हांतुळणावेल्यान उठली, आत्त्याल्या पांयाकडेन येवन पांयाक हात लावन पांय पडली. थंयसून तिणें सावकास आंगणांत पांय दवरलो. आंगणांत थंड वारो व्हांवतालो. वेल्यान शेंकड्यांनी नखेत्रां वांकून पळयतालीं. तिणें तोंडान ''राम, राम'' म्हणत देणप्या भायर पावल घालें. ते पांय तशेच रेंवे दोंगुल्लेवेल्यान चलपाक लागले. अस्तमतेचे वेळेर ती पावली. थंय रावनासतना तिणें समुद्राची वाट धरली.

दर उमाशेक येवपी समुद्राचें उदक त्या दिसा सुकतेक लागून फाटीं फाटीं वचत आशिल्लें. नागवेणीन हून उस्वास सोडत न्हंयच्या तोंडार वचपाखातीर समुद्रा वेळेवेल्यानच दक्षिणे दिकान वचपाक सुरवात केली. पावलां कणकणी तिजी कूड ओडत मुखार वताली. हड्डें हालयनासतना ती चलताली. समुद्राचें पाळांक तिगेली तंद्री ना करपाक जमना जालें. झेमतल्याक आल्लय म्हळयार कशें जाता तशें त्या पाळा आवाजान तिगेली तंद्री चड जाताली. पूण मदींच एक कोल्यान ''कुऽयोऽऽ'' म्हूण कुलो मारलो. समुद्रा देगेवेल्यो कुल्ल्यो खावपाक तो आयिल्लो. आपणाल्या वाठारांत दुसऱ्यान पांय दवरिल्ले ताका बरें दिसलें ना जावंये.

कुलो आयिल्ले वटेन नागवेणीन मान फिरोवन पळयलें. कांयच जालें नाशिल्ले भशेन परतून ती मुखार वचपाक लागली. घटके भितर ती न्हंयच्या तोंडा सामखार पावली. पसरायिल्ले मांद्रेभशेन आशिल्ली रेंवेची वेळ, आतां सामकीच बारीक जायत वचत न्हंयच्या तोंडार सोंपिल्ली. न्हंयचें उदक हांसत सागरांत वतालें. 'तूं म्हाका नाका' म्हूण सागर ते उदक परतून धुकळटालो.

नागवेणीक आपणाल्या प्रवासाची शीम आयली अशें दिसलें. मन भुरग्या कडेन धांवलें. मदीं म्हाताऱ्या, कुड्या आत्त्याकडेन व्हांवलें. तिज्या मोगाक लागून आपणाले जायते दीस सुखांत गेले म्हळळी तिका याद जाली. ''म्हजे हे चुकेक ती क्षमा करत?'' म्हळया विचारान तिजें मन कळवळें. तिणें मान वयर करून वेले मळब पळयलें. नखेत्रांय दोळे धांपनासतना तिका पळयतालीं. तिजी तंद्री भंगली. आतां वदरपी कोलो न्हय, सुणें! पयस सांवळे भशेन उबी आशिल्लेक पळोवन खंयचें तरी एक सुणें भोंकलें. ताजे फाटो फाट मनशालो आवाज आयलो. कोण तरी हे वटेन येता अशें तिका दिसलें. आतां वेळ केल्यार उपकारचें ना म्हूण तिणें उदकांत उडी घेतली.

सुणें कोणाचे तरी फाटल्यान धांवलें तें पळोवन 'हें कितें!' म्हूण भिरांतेन दोगजाण धांवत आयिल्ले. कुल्ल्यो धरपाक हातांत पाटलें घेवन येतना, न्हंय देगेर कोणाक तरी पळोवन सुणें भोंकतालें ते तांका दिशिल्लें. तशेंच पळयता म्हणसर उदकांत बुडून वयर

येवपी मनीस! सुण्याक भिवन कोणेंतरी उदकांत उडी घेतली आसतली म्हूण समजून तांतल्या एकट्यान रोखडीच उदकांत उडी घेतली. आनेकटो ताका राखत वयर उबो रावलो. समुद्र आनी न्हंयच्या उदकांच्या झगड्यांत, वयल्या आनी तळांतल्या प्रवाहांच्या झुजांत नागवेणी सुद्द ना जावन हांगा थंय व्हांवताली. खारव्याल्या हाताक तिगेलो पदर लागलो. एकट्यान दुसऱ्याक ओडत, निमाणें वयर आशिल्ल्यान दोगांकय ओडत निमाणें तिका वयर काडलें. सुणें भोंकत आसा तें पळोवन तांणी रागान ताका धांवडायलो. सगळें जोगलां भशेन घडलें...! तांणी केल्ल्या उपचाराक लागून थोड्या वेळाभितर नागवेणीन दोळे उगडले. त्या खारव्यांनी थंयसून लागीं आशिल्ल्या माडा भाटांतल्या घरांतल्यांक बेगिबेगीन उलो मारून आपयलें. तिका तांगेर व्हरून मुखार दिवो लायलो. त्या घरांतले एके जाणटे खारविणीन "आमा, तुमकां खंयतरी पळयलां अशें दिसता" अशें म्हणत येवजीत "तुमी ऐताळांगेली सून न्हय?" म्हूण तिणेंच विचारलें.

"हय" म्हणत नागवेणी 'घोऽऽ' करून रडली. "म्हाका थंयच व्हरून उडयात; सुखान मरपाक सोडात" म्हणपाक लागली.

हे वटेन ऐताळाल्या घरांत न्हिदिल्लो भुरगो सकाळ फुडें जागो जावन "आमागे" म्हूण रडलो. सरसोती नागवेणीलो आवाज आयकनासतना "न्हीद पुता, आवयक बरी न्हीद लागली आसतली" म्हूण ताका थापटीत न्हिदोवपाचो यत्न करपाक लागली. भुरगो चडच रडपाक लागलो. "नागू, नागू" म्हूण सरसोतीन व्हडान आपयलें. ती उठना तें पळोवन "खंय गेलें नागू? हांगा राम रडता पळय" म्हळें. निमाणें आपणेंच रामाक थंड केलें. "ही कित्याक इतलीं बेगीन उठली? खंय गेली आसतली? पत्रो झाडपाक? काय आयदनां घांसपाक?" म्हूण विचार तिणें केलो. आयदनां घांसपाक जाल्यार तळयाकडेन आसपाक जाय. तशें जायत तर हांवें आपयिल्लें तिका आयकुपाक जाय आशिल्लें. वेळ कितलो जाला तें कळनासतना उंडी झाडा मुळांत झाडपाक गेली आसतली अशें ती समजली. पूण सकाळीं कोणें तरी आपयिल्लो आवाज तिणे आयकलो. सरसोतीन "कोण आपयता? कोण जाय?" म्हणमेरेन नागवेणी मान सकल घालून भितर आयली. "आजीबायम्मा, हें कितें? तुमगेली सून मध्यानरातीं न्हंये तोंडार जीव दिवपाक गेल्ली. कुल्ली धरपाक गेल्ल्या दादल्यांनी पळयलें म्हूण तांचे पुण्यायेन एक जीव वांचलो" म्हूण सगळें घडिल्लें सांगलें. "नागू! कितें केलें तुवें!" म्हूण सरसोतीन भिवन रडतच विचारलें. "तुमी म्हजे धुवेक वांचयलें सायबिणे, पाप! ती तरी करतली कितें? देवान असली दणदणा दिल्यार..." म्हूण आयिल्ल्यां सामखार आपणालें दुःख परगटायलें. आयिल्ले गेल्या उपरांत सरसोतीन भितर येवन "धुवे, अशें सगळें केलें तुवें? एक खीण तूं दिसली ना म्हूण हो चलो हुंदकेवन हुंदकेवन रडून खरशेलो. तुवें ताका सोडून वचप अन्यायाचें न्हय? ह्या संसारांत त्रास भोगपी आमीच तितले आसात? आमचे परस हजार वांट्यान त्रास भोगपी नात?" म्हूण चार उपदेशा उतरां सांगलीं.

उजवाड जावन एक दोन घटका जा मेरेन नागवेणीलो बापूय थंय पावले. "ऐरोडींत कसलीच अडचण जावची ना. आमगेर आजच सगळीं येवन सोडात. नागवेणीक म्हज्या वांगडा मंगळूरा व्हरतां" अशें तांणी म्हळें. तीं उतरां आयकून नागवेणी थंय रावपाक जाय नासतना गोठ्यांत वचून गोरवां गळ्यांतलीं दावीं सोडोवन तांका भायर घेवन गेली. "धूव

येतली आनी उलयतली'' म्हूण बशिल्लो बापूय वाट पळोवन बेजार येवन ''अशें खंय गेलें तें?'' म्हूण विचारपाक लागलो. सरसोतीन ''म्हजो विचार तुमी करनाकात. हांव आनी सत्यभामा हांगा कशींय रावतात. पूण तिका आनी तुमगेल्या नातवाक राखचो भार तुमचो. काल रातीं ती न्हंयंत उडी मारपाक गेल्ली खंय'' म्हूण आपणें आयकल्लें सगळें तांकां सांगलें. वासुदेवय्याली चिंता आनिकूय चड जाली. ''देवा, कितें ही म्हजे धुवेची गत! फुलाभशेन वाडोवन मध्यानच्या वतांत सुकयिल्ले परस पाश्ट गत जाली!'' म्हूण ते कळवळळे. ''नागवेणी'' म्हूण आपयत, तिका सोदत फाटले दोंगुल्लेर गेले. आतांच आयकल्ली काणी मनांतच घोळत आशिल्ल्यान तांणी नीट समुद्राकडेन वचून न्हंयची वाट धरली. वाटेर मेळिल्ल्या एकट्याक ''आमगेली धूव, राम ऐताळाली सून, हे बाजून दिशिल्ली?'' म्हूण विचारलें. ''कित्याक? घरा फाटल्यान गोरवांक सोडून बशिल्ली दिशिल्ली'' म्हूण जाप मेळ्ळी.

''घरा फाटल्यान?''

''हय, त्या उंडीझाडा वाठाराक. आतांच हांव पळोवन आयलां'' म्हूण पळयिल्ल्या एकट्यान सांगलें.

तशेच ते घरा लागीं आयले. घरा फाटले उंडी झाडाचे सांवळेंत नागवेणी मात्यार हात घेवन बशिल्ली. थंय लागींच दोन गोरवां चरतालीं. ते लागीं आयले तरी ती उठली ना. तिजे दोळे तिगेल्या पांया बोटांक पळयताले. तांणी लागी येवन ''धुवे, हांवें सांगिल्लें तुका आवडलें ना? राग आयलो? बेजार आयलो...? तुवें कित्याक म्हूण काल रातीं तशें केलें? तुगेल्या आत्त्याल्या विचाराक लागून? हय? खरें मूं?'' म्हूण ल्हवूच विचारलें. ''नागवेणीन मान वयर करून बापायलें तोंड पळयलें. तिज्या दोळयांतल्यान दुकां व्हांवलीं. एक दोन खिणा उपरांत ''हय, हांवें तुमगेर येवचें म्हणटां, पूण तांकां कोण आसा? हे पिरायेंत तीं दोगांय दुसऱ्यागेर कशीं रावतलीं? हांगाच घरा सोपणार आपणे दोळे धांपल्यार पुरो म्हणपी आत्त्याक तर तें कशें जमत?''

''सगळयांचें हांव कसो करतलों? तरी कितेंय करपाक जातलें. पूण तुवें हांगाच रावता म्हूण हट्ट धरल्यार हांवें कशें करप?''

''तीं थंय येवपाक तयार जावचीं नात. तीं आसा मेरेन हांवय येना.''

''तशें म्हळयार तुगेल्या चल्याचें कशें जातलें? तुजें कशें चलतलें?''

''कशेंय जावं, हांव हांगा रावतां. गेणीक जाल्यार गेणीक शेत रोवन आमी जिवंत आसा मेरेन हांगा रावतात. म्हज्यान एका चल्याक पोसपाक जावचें ना? हांव जगून उरल्यार, तेवय जगून उरल्यार, पळयतले कोणेय हात सोडलो तरी राम ऐताळाल्या नातवालो हात आवयन सोडलो ना; तागेले आवयन पुताक दुसऱ्याल्या उश्ट्या खातीर हात पसरावपाक लायलो ना म्हूण जाल्यार पुरो.''

''तुगेलें मन तितलें घट्ट आसा जाल्यार काल रातीं तशें करपाक तूं कित्याक गेल्लें?''

''आत्त्याकडसून तुमी म्हाका पयस व्हरतले म्हूण. तांकां म्हजी काकुळट दिसून तूं वच म्हूण तीं म्हणटात. तांकां एकट्यांकच रावपाक जाता, अशेंय तीं म्हणटात. तांकां धड दोळे दिसनात, चलपाक त्राण ना, पिराय सत्तरार पांच आसा. तांकां एकट्यांक रावपाक जाता जाल्यार म्हाकांय रावपाक जायना तर? मरण सगळयांक आसा. पूण मनीस तण खावन

काय मरचो ना."

हीं उतरां आयकून वासुदेवमय्याक आपणाले धुवे बद्दल चडच अभिमान दिसलो. "धुवे, तुवें चली जावचे परस चलो जाल्लो जाल्यार..." अशें मनात आयलें. तांगेल्या काळजांतली सगळी माया बांद फुटून येवपी उदका भशेन दोळयांतल्यान खळखळत व्हांवली.

"जायत धुवे. तुजे सारक्याचो देव हात सोडचो ना. तूं तांचे बरोबरच राव. पूण हांगा अशेंच रावपाक जाय म्हूण आसा? न्हंयचे पलतडेन आमगेली जमीन आसा. थंय घर बांदपाकय हरकत ना. लोकाली जमीन गेणीक करून सुखान म्हूण रावपाक जाता? गेण दिवन उरतलें कितें? तेंवय भात दिवन दुसऱ्या कडसून रोवन घेतल्यार कसलो लाब आसा?"

"रावल्यार हांगाच रावप. हें घर जाणें घेतलां ताका आमी हांगा रावचें नाका अशें दिसल्यार फाटल्या आवारांत सरकारी जागो आसा. थंय एक खोंप बांदून तरी रावतलें. एक दीस केन्नाय तरी ते सोदत येतलेच. तेन्ना आपणाल्या चल्याक खंयचे परिस्थितींत हाडलें तें पळोवन सूख मेळोवंदीत!"

तिगेलें मन दोशी वटेन धांवतालें. घरातल्या जाणट्यां विशीं माया, आदर बी जितलो खर आशिल्लो, तितलोच आपणाक हे दशेक पावयिल्ल्या घोवाविशीं रागय आशिल्लो. आपणालो देह झरोवन जालें तरी जगलें, घोवान हात सोडलो तरी आमी मेले नात म्हूण दाखोवपाक जाय म्हळळी जिद्द तिज्यांत आशिल्ली.

वासुदेवमय्यान धुवेक घरांत आपोवन हाडलें. "सरसोतीमाई, तुमचो दोगांमदलो रुणानुबंद देवान घट्ट बांदिल्लो आसा. हांव तो तुटयना वो उणो करना. पूण एक सांगतां-केन्नाय कसलोय आधार जाय जाल्यार, हेरांक विचारनासतना आमचेकडेन विचारात. हांव ना जालों तरी गांवांत नारायण आसा. इतलेंय करना जाल्यार म्हजी आण आसा" म्हूण वासुदेवमय्यान म्हळें. ते धुवेल्या आगऱ्याक लागून दनपारच्या जेवणाक रावले. आपूण आपणाल्या नातवाल्या तोंडांतली एकेक उंडी कमी करत आसां म्हळळो विचार तांकां जेवतना येतालो. थोडें जेवल्या उपरांत तांकां जेवपाकव जालें ना. जेवतना मदींच "सरसोतीमाई, हो संवसार म्हळयार कितें? देवान कित्याक केलो कोण जाणा?" म्हळें. तो वेळमेरेन तांगेल्या मनांत असो कळवळो आयलो नाशिल्लो. तेन्ना तांकां लागिल्ली चिंता तांचो अंत जा मेरेन तांकां सोडून गेली ना.

वकील गांवा गेले. ते गेल्ल्या एक दोन दिसांतच सत्यभामा हुसक्यान घरा आयली. घरांत घडिल्लें सगळें सरसोतीन तिगेल्या कानार घाल्लें. आपण्याली "सून म्हळयार एक देवता" अशें तिकाय दिसलें. चारच दीस मन अस्वस्थ जाल्ल्याक आपूण धुवेगेर धांविल्ले बद्दल तिका लजय दिसली. "आमचे सारकीं आसून कितें उपयोग? ती मंगळूर साकून आयल्या उपरांत परतून कुळारा म्हूण गेली ना. आवय बापूय तिका हांगा येवन मेळयात शिवाय ऐरोडींतय ती एक रात रावली ना. तिगेलो हो तप फुकट वचपाचो ना. आमी काडिल्ल्या दोळयां उदकान नातवाक तरी सूख मेळयार पुरो" म्हूण तिणें मनांत म्हळें.

रामाक दोन वर्सां जालीं. गुडीपाडवोय आयलो. सगळयांक फटोवन लग्नान ना जाल्ल्याक वर्स जाल्लें. त्या एकाच वर्सां भितर ऐताळाले वंशज आपणाले भुंयेर गेण दिवपी मुंडकार जाल्ले. नागवेणीन म्हाताऱ्या सुराक आपोवन ताजे कडेन आपणालें दुःख

परगटायलें. "पळय सुरा, देवान अशें सगळें घडयलें. तुका पिराय जाल्या खरी, पूण तुगेले चले काम करपी आसात. तांचे कडसून एक नांगर मारून दिल्यार, तीन मुडीचें आमगेलेंच शेत करून कशेंय जगचें म्हूण केलां" म्हळें. सोपणार बशिल्ले सरसोतीन "देवालो खेळ पळयलो, सुरा!" म्हळें. कितेंय म्हळें तरी सूरा तांगेर काम करून चार गोटो खाल्लो मनीस. आतां आपणाल्या धनयांक जाल्ली गत ताज्यान पळोवपाक नज जाली. ताणेंय दोळयांत दुकां काडली. "आमा, म्हजे चेडे तशे फडपुशी न्हयत. तुमगेल्या शेतांत नांगर मारून येयात म्हळयार ते येना म्हणचे नात" म्हळें. "तुका भाताक आमी फटोवपाचे नात सुरा. तितलें आसा आमचेकडेन. आतां एक पटी नांगर मारून गेल्यार, मुखार देव दिता तें मेळटलें. अड्या पावसान पीक आड पडचे पयली कापणी करपाक दोग मानाय आयल्यार पुरो" सरसोतीन म्हळें. सूर हातांतलो दांडो तेंकयत घरा गेलो. ताणें म्हळळें तशें सरसोती आमाले तीन मुडी शेत पावस मारचे पैलींच नांगर मारून भुसभुशीत जालें. बीं घालपाक योग्य जालें. गिमांत एक दोन पावस पडिल्ल्यान घाल्लें बीं कोंबेलें. नागवेणी आनी सत्यभामेन रामाक हांडीर घेवन कुकडांनी शेत पाड घालचें न्हय म्हूण नदर दवरली.

वत तापलें. अस्तमतेंतल्या मळबांतल्यान कुपांचेर कुपां येवन उदेंन्तेतल्या दोंगरार एकठांय जावपाक लागलीं. ताका लागून गांवांत लग्न मूज आशिल्ल्यांक भिरांत जरी दिसली तरी हूम गळोवन रोयिल्ल्या भाताचेर तें व्हांवन वचचें न्हय अशे तरेन जाय तितलोच चार थेंबे पावस पडलो. तेन्ना सगळे वटेन शेत पाचवेंचार जालें. सरसोतीन देवाले उपकार मानले. "सत्या, मजुरीक भात दिवन तोटीन उदक घालपाचें पडल्यार सगळें ताकाच वतालें. देवानच राखलें" म्हळें. दुसऱ्या दिसा रामान रडिल्लें आयकून "सत्या, पावसाळयांत चल्याक खावपाक म्हूण कितेंय तरी कर. कांय ना जाल्यार तांदळा पापड तरी कर" म्हळें. नागवेणीन मदींच तोंड घालून "पापडाक तांदूळ? रोवप, नण्णी काडप, कापणी करप ह्या सगळयाक कितलो तांदूळ जाय म्हूण पळयनासतना पापडाक तांदूळ काडल्यार..." म्हळें. "चल्याक पापड करपाक लागून तांदूळ उणो पडल्यार आमी तिगांय जाणांनी एकेक दीस उपास केल्यार जालो" म्हूण सरसोतीन हांसत म्हळें. नागवेणीक लज जाली. तरी घरांत आसात ते तांदूळ भांगरावरी राखून दवरपाक जाय म्हूण तिगेलें मन सांगतालें. "कांय नाका. कशेय तरी पापड जाल्यार जालें न्हय?" तिणें म्हळें. गांवांत कसल्याचोय दुकळ पडलो तरी काजू झाडांचो दुकळ ना. काजू फोगाकडेन हुंगून पळोवपी कोण नासता. तेच हाडून ताजे पापड केले; ताज्यो वड्यो घाल्यो. "हे पापड आनी ह्यो वड्यो पावसान वायट जायनासतना उरल्यार पुरो" म्हूण तिणें मांयकडेन म्हळें. सत्यभामेक धुवेगेरची याद जाली. "चार पणस थंयसून हाडल्यार कसलीच काळजी उरची ना" म्हूण तिणे म्हळें. "थंयसून हांगा पणस उखलून हाडप म्हळयार कितें खेळ?" नागवेणीन विचारलें. सरसोतीन आपणाल्या जुवानपणांत घाटावेल्यान आंबल्यो हाडून लोणचें केल्ली खबर सांगली. "तुमकां तेन्ना तितलें धैर्य आनी तांक आशिल्ल्यान कितेंय करपाक जातालें" सत्यभामेन म्हळें. तरी नातवालें तोंड 'येदेंऽ' जावचें न्हय आनी ताणें खावपाक दी म्हूण आवयक सतावचें न्हय म्हूण सत्यभामा मंदर्तिक वचपाक भायर सरली. "चड दीस रावना; दोन दिसांत पावतां" म्हूण भायर सरली. येवपाक दोनाचे चार दीस जाले. सत्यभामा धुवेगेरसून आयली. तिजे फाटल्यान मात्यार एक पोटली घेवन सुब्बीलो चलो आयलो.

तिज्या मात्यारय एक पोटली आशिल्ली. त्या दिसा आपणें हें काम केल्ले बद्दल सत्यभामेक जाल्ली खोस सांगपाची न्हय. "चोरडा, तुगेलो अण्णा आयलो पळय. पापड हाडल्यात" म्हूण तिणें म्हळें. सत्यभामेक चोरडाचें नांव घेवपाक जायना न्हय? ती अजून आपणाक "चोरडा" म्हणटा कित्याक म्हळ्ळें रामाक जरी कळनाशिल्लें तरी "पापड' म्हळ्ळे ताका कळटाले. सत्यभामेन धुवेगेर पणस काडपाक लावन, शिंदून, शिजोवन, पापड लाटूनय हाडिल्ले. वांगडा कणंगाचे आनी आळवा माडयेचे पापडय चल्याक म्हूण तागेल्या आत्यान धाडून दिल्ले. सत्यभामे बरोबर आयिल्लो सुब्बीलो चलो एक-दोन दीस रावन परत गेलो. ताजे फाटोफाट म्हळ्ळे भशेन पावसा वारेय व्हांवले.

वर्सा परस ह्या वसा बेगीन पावसाळो सुरू जाल्लो. गांवचीं तळीं आनी बांयो डरांव डरांव करपी बेब्यांच्या आवाजान भरलीं. दर्याचो गाज सामकोच चड जालो. "एकाच धपक्यांत सगळो आवारो गिळपाचो इरादो वरुण राजाचो आसा दिसता!" म्हूण सरसोतीन म्हळें. पावसा तालाचेर तरवो लावपाचें काम चल्लें. सुराल्या भुरग्यां वांगडा आनी नातवा वांगडा काम करपाक नागवेणी आनी सत्यभामाय आयलीं. तांचें तीन मुडीचें शेत तीन दिसांतच पाचवें जालें. नागवेणीक बरी दिसली ना म्हळ्ळी एकच गजाल म्हळयार सुरालीं भुरगीं तिगेर कामाचें भात व्हरपाक आयलीं नात म्हळ्ळीं. गेल्ल्या म्हयन्यांत धिकळे फोडिल्लो आनी नांगर मारिल्लो दिसवडो तांकां पावलो नाशिल्लो. आतांचोय पावलो ना. सगळें मेळ्ळयार बरेंच भात दिवचें जातालें. "दोन कळसोभर भाता खातीर सुरालें रीण आनी आपणाचेर कित्याक आसप?" म्हूण नागवेणीन तीन-तीन पटीं सुराक सांगून धाडलें. सुरान आपणाल्या भुरग्यांक सांगूनच दवरिल्लें. "पुतांनो, मागशी त्या आमान लोणचें, हें आनी तें दिवन आमकां पोशिल्ले. ऐताळ आसतना, गेणीचे तांदूळ जाले नाशिल्लें वर्सा, गांवचे लोक तांका हिमटो जरी म्हणटाले तरी आमकां मात 'आसूं सुरा, देवान दिल्यार फुडल्या वर्सा दी' म्हणटाले. तसल्यांक आतां ही परिस्थिती आयिल्ल्या वेळार, तांणी भात दिल्यारय आमकां नाका" म्हळें. ते खातीर सत्यभामेन सांगून धाडूनय उपयोग जालो ना. एक दीस नागवेणी तांगेर वचून "सुरा, पावसा थंडेन बरड जाले नंतर कामाचे तांदूळ व्हरतलो काय कितें?" म्हूण विचारलें. "आमा, आतां घरांत तांदूळ आसा. आमगेले म्हूण तुमगेर दवरात" म्हूण सुरान म्हळें. ह्या उतराचो अर्थ नागवेणीक कळ्ळो ना. "फाल्यां नण्णी जाले उपरांत भात व्हरपाक तो येतलो" अशें तिका दिसलें.

नण्णेचे दीसय सोंपले. नागवेणी सदच्या कामांत उरली. वेळ मेळटा तेन्ना शेतांत वचून कितेंय काम करताली. कांयच काम ना जाल्यार गोरवांक आंबुण्ण घेवन रानांत वताली. पावस काडिल्ल्या वेळार रामाक वांगडा घेवन वताली. रामाक तितली ताकत जरी नाशिल्ली तरी चोचडे उलोवपाक आनी धांवपा-खेळपाक तो शिकिल्लो. तागेल्या गोड उतरांनी व्हडांक खोस जाताली. मेकळीक आसतना ताका घेवन वचप म्हळयार नागवेणीक खोस जाताली. सारकोच पावस काडिल्लो पळोवन वत पडिल्ल्या वेळार ती ताका हांडीर घेवन वताली. भायर दोंगुल्लेर चडटकच "आमा, तें झगझगता तें कितें?" म्हूण दर्याक बोट दाखोवन तो विचारतालो. "दर्या" म्हळयार "दर्या म्हळयार कितें?" म्हूण परत प्रस्न विचारतालो. "व्होड तळें" म्हूण आवय हांसून सांगताली. "तातूंत साळकां आसात? पळोवया?" म्हणटालो. थंय व्हरून दर्या दाखय मेरेन तो हट्ट सोडनाशिल्लो. नागवेणीक चल्याक दर्या

उदकांत सोडपाक भिरांत दिसताली. पूण मुखाल्ल्या रेंवे वेळेक वेंग मारपाक उत्सुक जावन दर्यातल्यान नाचत येवपी पाळां पळोवपाक आनी तांकां हात लावपाक चल्याक बरें दिसतालें. तें पळयल्यार फेणेर हांसता तेपरस चड हांसो ताका येतालो. "पुता, घरा वचया" म्हळयार "नाका, हांगाच खेळया" म्हूण हट्ट घेवन बसतालो. अशें चार दिसांतल्यान एक पटी तरी ताका दर्या वेळेर घेवन वचपाक जाय आशिल्लें. राती न्हिदपा वेळार दर्याचो वाडिल्लो गाज आयकून "आमा, तो वदरता कोण?" म्हणटालो. "दर्या" म्हळयार "तो कित्याक वदरता? ताका कितें जाय खंय?" म्हूण विचारतालो. ताका बेजार आयिल्ल्या वेळार वो तो रडटा आसतना "रामा, दर्यादिगेर वचया" म्हळयार जाले, तो ओगी रावतालो. ताजे खातीर पैस वचपाची गरज नाशिल्ली. घराकडसून शंभरेक पावलां घाल्यार जालें, दर्या मेळटा. पावस मात आसपाक जायना.

रामाक खाणा-जेवणाक उणें पडलें ना. आजेन मंदर्तिसाकून हाडिल्ली पापड-वडी आशिल्ली. एक पापड भाजून दिल्यार ताका पुरो. उरिलो वेळ तो आजेकडेन वो सरसोती कडेन उलयत आसतालो.

पावसाळो सोंपत आयलो. भाद्रपदांतली उमास आयली. गांवचे त्या दिसा समुद्रस्नान करतात. पितरांक पिंडय दितात. सरसोतीक आपणेंय समुद्रस्नान करचें दिसलें. काशी वचून आयले नंतर तिणें समुद्रस्नान केलें नाशिल्लें. चमकत वचप आनी दर्यात बुडप आपणाक जमचें ना म्हूण ती ओगी आशिल्ली. पूण आतां "आनीक कितले दीस म्हजे उरल्यात? नागू, एक वेळ बुडून आयल्यार जातालें" म्हूण तिणें म्हळें. "थंय मेरेन तुमकां वचपाक जातलें?" म्हूण नागवेणीन विचारलें. "हुं, जायनासतना कितें? दोळे दिसनात खरे. पूण हाताक धरून व्हरात आनी उदकांत बुडोवन काडात. उपरांत बाजून रावन हांव मिठा उदकांत सावकाश न्हातां. पितृपक्षांतली उमास, न्हावपाक जाय म्हूण मनांत दिसता. आतां हांवें खंय देवळांत वचपाचें आसा? काय तीर्थांक वचपाचें उरलां? आज इतलें एक करात" म्हळें.

त्या दिसा ती घरांत एक पटी न्हाली. कोणालोय आधार घेनासतना घरांतले देवाकुडींत वचून पांया पडून आयली. "सत्या, कोण म्हाका बरोबर व्हरता? तूं काय नागवेणी? तूंच जायत. मदें मदें थांबत वचया... एकदम चमकुवपाक पांयान जावचें ना. बुडटी घेवपा वेळार आमगेल्या उपाध्यायाली बायल म्हजो हात धरपाक मेळटली. ती आनी तूं दोगांय धरून म्हाका बुडोवन काडात. रामाक घेवन नागवेणी घरांत रावतली" म्हळें.

राम घरा रावपाक तयार जाता? आपूणय दर्यार येतां म्हूण लागलो. "पुता, तूं हांगाच राव; म्हज्या वांगडा नाका? म्हाका एकट्याक भिरांत दिसपाची ना?' म्हूण नागवेणीन मस्कऱ्यानी म्हळयार, "आजेक भंय दिसतलें, म्हाका तिज्या वांगडा वचपाक जाय" म्हणपाक लागलो. तागेल्या हट्टाक लागून नागवेणी ताका घेवन भायर सरली; घरांतली सगळीं मेळूनच गेलीं. रामान आजेलो हात धरून "आजे, यो, हांव तुका व्हरतां' म्हळें. सगळीं हांसलीं. सरसोती सावकास पावलां घालत, एका हातान सत्यभामेक धरून, दर्या देगेर गेली. वतना वाटेर सत्यभामे कडेन "म्हाका आज याद जाता सत्या, पारोती आसा मेरेन हांवें उमाशेचें खंयचेंच स्नान सोडलें ना... सत्या, ती उमाशेकच भायर पडिल्ली न्हय?" म्हळें. पारोतीली याद येवन तिगेल्या दोळयांत दुकां आयलीं. सगळीं जाणां दर्या

देगेर पावलीं. ते रेंवे वेळेर शंभरेक लोक आशिल्ले. कांय जाणांचें न्हाण सोंपिल्लें. कांय जाण न्हाताले. कांय जाण तिळा तर्पण करताले. रामान चोंयवटेन पळयलें. "आमा, हांव तशें करतां" म्हणत थंयच बसून रेंवेचो गुळो करून "ओ वां, ओ वां" म्हणत पिंड दान करपी आजुबाजूच्या लोकांनी म्हळळे मंत्र आयकून आपूणय तांचे भशेन करपाक लागलो. ताणें म्हळळो मंत्र आयकून आजी हांसली. "सत्या, अण्णाली बड हाका पूर्णपणान आयली पळय. तो आसल्यार आज हांगा मंत्र म्हणटलो आशिल्लो" म्हूण तिणें म्हळें.

न्हाणाची तयारी जाल्ली. रामान आपूणय न्हातलों म्हूण हट्ट धरलो. सत्यभामेन आनी नागवेणीन ताजे हात धरून ताका उदकांत बुडोवन काडलें. चल्याल्या दोळयांत मिठा-उदक वचून चुरचुरपाक लागले तरी तो पाळां आंगार घेत "न्हावपाक बरें दिसता; आनी जाय, आनीकय जाय, खूब न्हावपाक जाय म्हाका" म्हूण सांगपाक लागलो. रामालें झकास न्हाण जालें. वत चड जावन आत्त्याक घरा वतना त्रास जावचो न्हय म्हूण सुब्राय उपाध्यायाले बायलेक सोदलें. ती आपणाले एके इश्टिणीकडेन उलयताली. नागवेणी रामाल्या हाताक धरून रावली. उपाध्यायाले बायलेन आनी सत्यभामेन सरसोतीलो हात धरून नाचत येवपी पाळां सामखार रावन मिठा उदकांत तिका न्हाणयलें. उपरांत नागवेणी कडसून तीन पावाणे घेवन थंय आशिल्ल्या एका भटाक दान दिले. तिजे भशेन सत्यभामेनय केलें.

सरसोतीन "आतां वचया" म्हळें. उदेंन्तेक तोंड करून तीं घरा येवपाक लागलीं परततना सगळोच त्रास एकवटून आयिल्ले भशेन सरसोतीक जालें. तरी मदीं मदीं रावत, पावोवपाक आयिल्ले उपाध्यायाले बायलेकडेन उलयत घरा लागी पावलीं. घरा आंगणांत पावतना "धुवे, म्हज्यान कांयच नज; इल्लें गोडा-पानक करून दी" म्हळें. नागवेणीन तिका चौकेर बसयलें आनी पानक करपाक भितर गेली. "हांव पानक पिवयतां" म्हूण रामान म्हळें. "जायत पुता" म्हूण तिणें म्हळें. थोड्याच वेळांत तिका खूबच त्रास जावपाक लागलो. थंयच ती आड पडली. पानक हाडलें तशें रामाल्या हट्टाक लागून तागेल्याच हातान थोडें पियेली. जरा बरें दिसलें. "पुता, तूं बरो करून राव. आवयक आनी तुगेल्या घराण्याक बरें नांव हाड" म्हूण हांसत तिणें ताका आशीर्वाद दिलो. उपरांत "हांवें काशींतल्यान हाडिल्लें भागीरथी तीर्थ एक चिपटभर म्हाका पिवयल्यार जातालें अशें दिसता" म्हळें. सत्यभामेन एक सान गिंडी हाडून ताज्या तोंडार लायिल्लें मेण काडलें. तांतलें तीर्थ घेवन "तोंडांत घालूं?" म्हळें.

रामान "आजे, हांव तीर्थ तोंडांत घालतां" म्हळें. "तुवेंच घालपाक जाय पुता" म्हूण तिणें म्हळें

आत्त्याक पानक करून दिल्ले नागवेणीक कळवळो भरलो. ती भिवन धांवतच सुरागेर गेली आनी तिणें सानबाप्पाकडेन मानाय धाडलो. ती घरा पावतना राम आजेल्या तोंडांत तीर्थ घालतालो. सरसोतीलें तोंड पळोवन उपाध्यायाले बायलेकय भिरांत दिसली. तिणें "कोणूय दादलो मनीस आसल्यार जातालो. सरसोतीक खूब संकट जायत आसा!" म्हळें. सरसोतील्या कानारय हें उतर पावलें. "म्हजो राम दादलो न्ह तर..." ते म्हातारेन हांसत म्हळें.

तेंच तिगेलें निमाणें उतर जालें. ती संकटान पुरो जावन गेली. थोड्याच वेळांत ती थंड जाली. नागवेणीन तेन्नाच म्हाका दिशिल्लें, 'पारोती उमाशेकार भायर पडिल्ली न्हय'

म्हूण हांणी म्हळळे वेळार! कोण जाणा, तांणीच आत्त्याक आपोवन व्हेलें अशें दिसता''
म्हूण रडत म्हळें.

राम आजेकडेन वचून, तिजें आंग परतू-परतून हालोवन तिजे कडेन उलोवपाक लागलो. नागवेणीच्यान तें पळोवपाक नज जावन ती ताका घेवन हेवटेन आयली. घरा पाविल्ल्या नारायणमय्या कडेन सत्यभामेन ''तांकां इच्छामरण आयलें. आपयिल्ले घटकेक मरणान तांकां व्हेलें. आमकां पापी लोकांक तें खंय मेळटा?'' म्हळें.

○

20

नवरात्र सोंपलीं; गांवचें शेत पिकलें. दर्याचो गाज उणो जाल्लो. रांपण घालपाक पागपी तयारी करपाक लागले. हेवटेन हंगारकट्टे न्हंयंत भायल्या गांवचे मचवे येवपाक लागले. रामाक घरांत बेजार येवपाक लागलो. आपणाक भोंवंडावपाक व्हर म्हूण तो आवयक त्रास दिवपाक लागलो. चार-आठ दीस मेरेन 'आजे, आजे' करत सरसोतीली याद तो काडटालो. तागेलें मन दुसरेकडेन व्हरपाक नागवेणी ताका सदां सांजे आवाऱ्यार वो दर्यावेळेर भोंवडावपाक व्हरताली. पयलीं तांचेच मालकीच्या आशिल्ल्या भाटांत ती एक दीस गेल्ली. चल्याल्या आज्यान ऐतु पुजाऱ्या कडसून घेतिल्लें भाट तें. पूण आतां तें तांचें न्हय आशिल्लें. तरी तिजे पांय ओडत तिका थंय घेवन गेले. रामय हांडीर आशिल्लो. भाट नंदनवनाभशेन दिसतालें. थंय नाल्ल राशींनी लांबताले. सत्यभामे वांगडा मागशीं एक पटी ती त्या भाटांत वचून आयिल्ली. आतां ती याद जावन "पुता, देवान आमगेल्या नशिबांत बरयलें ना. ना जाल्यार हें भाट तुजें आसतालें" म्हळें. रामान माडार लोंबकळपी नाल्ला पेंडींक हात दाखयत "आमा, ते जाय" म्हळें. "ते आमगेले न्हय, पुता" म्हूण रामाक फुसलावन घरा हाडचें पडलें.

सरसोतीलो बारावो आयलो. तिगेल्या घोवागेरचे, सुब्बीगेरचे हांगा आयले आनी तांणी तिगेली उत्तरक्रिया केली. घरची परिस्थिती पळोवन सत्यभामेल्या जांवयाक वायट दिसलें. "आमगेरय बाप्पा भायर पडले नंतर घराचे तीन वांटे जाले. पूण चड जावं, उणे जावं, जमीन मात आमच्यांतच उरली. हांगची ही गत पळयल्यार कितेंशेंच दिसता" म्हूण ताणें म्हळें. "कितेंय दिसलें तरी एकच" नागवेणीन म्हळें. बाराव्याक आयिल्ले एकेकटे वचपाक गेले. वतना रामाल्या हातार पावली दवरून गेले. रामान "आमा, हें कितें? हाजें कितें करतात?" म्हूण विचारलें. सत्यभामेक आपणालें गरीबपण येवजलें. "ताणें सगळेंच जाता, भांगरा" म्हूण तिणें म्हळें. नागवेणीन हांसत "कांय ना पुता, तें तुका खेळपाक दिलां" म्हळें. "म्हाका खेळपाक हाजी गाडी करून दिता?" म्हूण ताणें विचारलें.नागवेणीन ते पयशे घेवन त्या बदलाक आज्यान जानवें करपाक उपयोग करपाची टकली ताका दिली. ती घेवन रामान खेळत वेळ काडलो.

मरण, सुतक म्हूण सदांचें जेवण सोडपाक जाता? शेतांत पिकिल्लें पीक पोटाखातीर म्हूण तरी कापचें नाका? चार दीस निश्काळजी केल्यार पावसारायाक राग येवन दिल्लेंय व्हरत.

कापणी आयली. सत्यभामा आनी नागवेणी ह्या दोगांनीय विळो हातांत धरलो नाशिल्लो. "आतां मानायांक घेवन कापणी करची काय आमीच विळो [illegible]न कामाक लागचें?" म्हूण विचार करचो पडलो. सुराक आपोवया म्हळयार फाटलें [illegible]चें भातच ताका पावलें नाशिल्लें. तो घेवपाकय आयलो ना. 'आतां तागेल्या घरांतल्या[illegible] आधार घेवन कापणी

केल्यार, मुखार भात मळपाचें काम आपणाक करपाक जातलें म्हूण तांणी येवजिलें. सुरान आपण्याले शेत कापचे पयली मालकिणीलें शेत कापून तण घरांत हाडून उडयलें. सुराली चोरडां वयाक आयल्यात, कामाक आयकनात. घरांत सूनो, भुरगीं आसतना ताका तें व्हड काम न्हय आशिल्लें. आतां घरांत येवन पडिल्लें तण मांच्यार बडोवपाचें काम मांय-सुनेन केलें. रामय मांच्यार बडोवपाचो खेळ करपाक लागलो. भाता-रास चौकेर येवन पडली. नागवेणीन "आदीं सूराल्या रिणांतल्यान मोकळें जावपाक जाय. कितले दीस काम ताणें केलें? ताका भात कितलें दिवचें जाता?" म्हूण हिशोब घालून तितली भाताची रास वेगळे कडेन घाली आनी सुराक आपयला म्हूण सांगून धाडलें. कित्याक तें कळनासतना तोय आयलो. "सुरा, हें भात तुगेल्या कामा लेकाचे. तें घेवन वच. व्हरनासतना तशेंच उरल्यार, फाल्यां तें सोंपल्यार कितें करूं?" म्हूण ताजे खातीर वेगळी घालून दवरिल्ली भाता रास दाखयली. सुरान "आमा, ह्या वर्सा म्हाका भात नाका... आमगेरच्या चार जाणांनी येवन तुमगेर काम केलें म्हूण आमकां कसलीच धाड मारची ना" म्हळें. "सुरा, म्हाका कोणालेच उपकार नाकात. आपणागेर यो म्हूण बापायन आपयलें तरी हांव गेली ना. अशें आसतना तूं म्हाका तुगेल्या उपकारांत कित्याक दवरता?" म्हूण नागवेणीन म्हळें. तिका वायट दिसून तशीच ती घरांत भितर गेली.

ते आयकून सुराकय वायट दिसलें. धनयाक गेण दिले नंतर तातूंत कांयच उरचें ना म्हूण तो नेणा तर? पूण नागवेणीलीं उतरां ताका खर दिसलीं. तिगेलें मन दुखोवचें न्हय म्हूण आपणाले एके सुनेक धाडून दिवन तें भात ताणें घरा व्हेलें.

आतां नागवेणीक बरें दिसलें. तिणें आनी मांयन भात सगळें मेजलें. पन्नास मुडी जाल्लें. गेण दिवन धा मुडी तांदुळ उरतले म्हूण दिसलें. धा मुडी घर खर्चाक कशी पुरो जायत? तांतल्यानच लुगटां, मीठ, मिरसांग घेवपाक नाका? आशिल्ल्या वांयगण शेतांत अर्दमुडी बीं घालून हूम गळोवन उदाक घाल्यार तीन-चार मुडी तांदुळ मेळटले म्हूण तांणी शेत रोवपाची तयारी केली. "शेत कसपाक तितलें सुराक सांगचें. उरिल्लें काम आमीच करना जाल्यार हें शेत परवडचें ना. गेण दिवन शेत करप म्हळयार सामकेंच त्रासाचें" म्हूण तांकां दिसलें. जालें, त्या दिसा साकून गोबोर व्हांवोवप, उदाक घालप, शाकभाजी रोवप हातूंतच दीस वचपाक लागले. भात कांडून तांदुळ करपाकय कोणाक आपोवपाचें तांकां धैर्य जालें ना. हें करतनाच थोडे तीळ, थोडे उडीद, थोडे कुळीदय रोयले.

रोवपाचें काम सोंपलें. वेळ मेळटा तेन्ना घरा फाटल्या झाडांचो पडिल्लो पत्रो झाडपाचें काम आसतालें. तन्न शिजोवपा वेळारच भात उकडचें आनी इल्लें इल्लें कांडपाचें काम चलतालें. नागवेणीन कांडण त्या आदीं धरलें नाशिल्लें. ना म्हळयारय फोव करचें वेळार वर्साक एक पटी तें काम करून ती जाणा जाल्ली. आतां सदां म्हळळे भशेन कांय दीस कांडिल्ल्यान तिगेल्या हाताक फोड उठिल्ले. हाता रेटे दुखताले. चार-आठ दीस हात सुजून तिका बरेच त्रास जाले. पूण जगपाक जाय न्हय? फाल्यां खातीर आज करपाक जाय. आपणें केल्लें सगळें काम रामय केल्ले भशेन करता तें पळोवन ती सगळी चिंता विसरताली. "ह्या चल्याक फुडारांत अशेंच जगचें पडटलें काय? ताकाय कांडण आनी भात बडोवपाच्या माच्याचोच आधार घेवचो पडटलो काय?" म्हळळो विचार तिका

येतालो. "पुताक एक मुंज बांदली जाल्यार घराण्याचो बंद पडिल्लो भटपणाचो धंदो तरी करपाक जातलो. ताका चार अष्टका शिकयल्यार आमचे भशेन त्रास ताका जावचे नात. तांदुळ जावं, नाल्ल जावं, मर्यादेन घरांत पावतले. ते आशिल्ल्या वेळार कसलेंच दिसलें ना. आतां एक एक दिसता" सत्यभामेन म्हळें. "कोणाक खबर, ताणें किर्तें किर्तें नशिबांत बरयलां म्हूण? तो तागेल्या मावळया भशेन शिकून व्होड जाता, काय आज्याभशेन भटपण करता, काय शीनमय्याल्या नरसिंवाभशेन हॉटेल घालता, काय आपणालेच वाटेन वता! सगळो देवालो खेळ! कोणाक कळटा! हांकां वकील करपाक धाडले; पूण केलें किर्तें? हॉटेल दवरपाक गेले" नागवेणीन म्हळें. ती कांय निराशावादी न्हय. पूण पुताल्या फुडाराविशीं तिका कांयच येवजनाशिल्लें.

घरांत शेता-कामाचे त्रास आसात म्हूण मांय-सुनेन रामालो हात सोडलो ना. आतां ताका चार वर्सां जावपाक चड दीस नात. पांचवें वर्स लागतकच आपणाल्या गांवा लागीं आशिल्ले शाळेंत ताका घालचें म्हूण थारायलें. ती शाळा सुरु जाल्या उपरांत शंकर अय्यगळालो मठ बंद जाल्लो. तांगेली खबरय नाशिल्ली. शेत करप, वेळ मेळिल्ल्या वेळार यक्षगानाचो अर्थ सांगत उरिल्लो वेळ बडाय मारत काडप अशें ते करताले. शाळेंत घाल मेरेन तरी रामाक घरांतच खेळोवपाक जाय. ताका दर्या दाखोवप, गोरवां राखत्ना व्हरप, लागीच्या गांवांत जात्रेक व्हरप हातूंतच ताजो वेळ वतालो. दर्यातलो रंग, रंगयाळ्यो शिंपयो, उंडीफळा हेंच घेवन तो खेळटालो. गांवांत खेळ आयिल्ल्या वेळार वाजयिल्लो आवाज आयकल्यार "टम टम" जाघचे कडेन आपणाक व्हर म्हूण राम सांगतालो. केन्ना केन्नाय रांपणकार मंदर्तीचो खेळामेळ वो मारनकट्टेचो खेळामेळ हाडटाले आनी तांचे कडसून खेळ करून घेवन खोस भोगताले. थोडो वेळ तरी खेळाक व्हरून हाडना जाल्यार राम सोडनाशिल्लो. "पुता, आतां न्हीद. सक्काळीं रंग लायिल्लीं सवंगां येवच्या वेळार तुका घेवन वतां" म्हूण ताका सांगतालीं. ते भशेन राती न्हिदून, सुक्र उदेल्लो पळोवन सत्यभामा ताका खेळाक व्हरताली. चल्यान माटवा कडेन लागीं वचया म्हूण हट्ट केल्यार "रामा, थंय लोकांली गर्दी आसा; भायले भश्टल्ले लोक सगळे आसात थंय. हांगाच रावया" म्हूण आपणालें अनवाळपण सांबाळटाली. निमाणें ताज्या समाधाना खातीर लोक उणें जाल्ले पळोवन रंग लावपाकडेन व्हरून "पळय तो रावण, हो भीम, हो तो..." म्हूण सांगताली. थंयचान घरा आयल्या नंतर राम तांबयो, आयदनां बी घेवन वाजोवन गोंदळ घालतालो. खेळांतले भशेन "अलल-कीहा" म्हूण वदरतालो. आंगण सगळें माडयतालो. "तुलें अशें सगळें करचें न्हय. तूं मेळांतलो तर?" म्हळयार राम "हय, हांव उप्रळळी शेष रावण जालां.. हांव पांडेश्वर पुट्टय्या अर्जुन जालां" म्हणटालो. नांवाक पाविल्ल्या सवंगां घेतल्यांक तो वळखुवपाक लागिल्लो.

एक दीस गांवच्या अमरदेवा सामखार खेळ जालो. रातींच खेळाक वचपाक जाय म्हूण राम हट्ट घेवन बसलो. तरी ताका फुसलावन सत्यभामा सक्काळीं घेवन गेली. चल्याक हांडीर घेवन लागीं आशिल्लें रेंवे दोंगुल्ल्यार रावन खेळ दाखयलो. त्या दिसा पळयिल्लो तसो बरे तरेन ताणें केन्नाच खेळ पळयलो नाशिल्लो. थंयचो खेळ आनी नाच ताका लागीं साकून दिसतालो. चल्याक उखलून घेतल्यार, समेळाच्या ताला वांगडाच तागेले पांय ताल धरताले. नातवालो हो उत्साह पळोवन आजेक आपणालें ल्हानपण येवजतालें.

खेळ पळोवन ती चल्याक घेवन घरा आयली. वाटेर तागेलें मातें पोरसून पळय जाल्यार तें दंवान ओलें जाल्लें. "चल्याल्या मात्यार खूब दंव पडलो न्हय. हांवें भान नासतना तें लक्षांत घेतलें ना न्हय" म्हूण तिका भिरांत दिसली. 'ताका थंडी जाल्यार' म्हळ्ळया विचारान ती गोंदळळी. फाटले मुस्तीतली गजाल तिचे नदरे सामखार आयली. त्या दिसा लच्चाक पारोतीन शेतांत व्हेल्लें, ताका जोर आयिल्लो, आपणें पोटा जाळान तिका उलयिल्लें, सगळें याद जाली. ती ते घडणुकेंतली सगळी गजाल येवजीत रामाक घेवन घरा पावली. तिगेले दोळे उदकान भरिल्ले. रामान तिगेल्या खांद्यार न्हिदून पडिल्लेंय तिका लक्षांत आयलें ना. घरांत घुसतना सत्यभामेलें तोंड आंबले तोरा भशेन बाविल्लें. सामखारच नागवेणी आयली. "मामे, राम न्हिदलो? ताणें खेळ पळयलो? हो चोर खेळ म्हळयार सामकोच पिसो जाता!" म्हळें. सत्यभामेन चूक केल्ले भशेन "नागवेणी, तूं कितें म्हणटा कोण जाणा, चलो... चलो दंवान भिजलो. म्हजी बुद्द खंय शेणली... हांव खंयच्या राज्यांत त्या वेळार आशिल्ली कोण जाणा" म्हळें. "कितें जालें इल्लो दंव पडल्यार... ताका तुमी इतलें ल्हान तोंड करपाक जाय?" म्हणत रामाक घेतलें. "तशें न्हय, जोर येत म्हूण भिरांत दिसली!" "जोरच येतलो न्हय; आनी कांय जावचें ना न्हय!" म्हूण नागवेणीन म्हळें. सत्यभामेन फाटली याद येवन ती गजाल सांगली. "मामे, ती जावं, आत्या जावं, दोगांय अवळीजवळी भैणीं भशेन रावलीं. तशीं बरेपणान कोणच रावलीं नां जातलीं" नागवेणीन पारोती आनी सरसोतीली याद जावन म्हळें.

आवयन रामाक मांद्रेर न्हिदयलें. तीं दोगांय घरकामाक लागलीं. रामाक न्हीद लागली. दनपार जावपाक आयली. कामांत आशिल्ल्या दोगांकय चल्याक उठोवपाक जाय अशें दिसलें ना. नागवेणी गोट्यांतले काम सोंपोवन न्हावन आयली. भितर रांदचे कुडींत वचचे पयली मांद्रेर न्हिदिल्ल्या रामाक पोरसुवपाची इत्सा जावन ती थंय गेली. कपाल पोरशिलें. तें तापिल्ले भशेन दिसलें. 'हें,भास आसतलो!' म्हणत आंगाक हात लायलो. आंग तापिल्लें. तिका तें खरें दिसलें ना. मांयन सांगिल्ले गजालीक लागून आपणाक भासच जालो अशें ती समजली.तरी उलयली ना. रांदन पेटोवन आदन दवरून आयली. "चल्याक वाऱ्या बादा जाली आसतली. कोणालो तरी दोळो लागलो आसतलो" म्हूण एक दवलो रान्नींत घालो. तों तांपून तांबडो जालो तसो ताज्या तोंडाकडेन हाडून उदकात बुडयलो. वाफ भायर सरलीं. हूंन वाफ लागतकच चल्यान दोळे उगडले. "आमा, कितें करता?" म्हूण रामान विचारलें. "पुता, उदाक सळसळायतां" आवयन जाप दिली.

"सळसळावप कसलें?"

"मागीर सांगतां पुता. तुका जोर आयला. न्हीद ओगी."

अशें सांगून ती भितर गेली. मीठ, मिरसांग हाडून चल्या तोंडा भोंवतणे उंवाळून ते तिणें उज्यांत उडयले. तशेंच आदनांत तांदुळ घालून मांयक कळयनासतना उपाध्यायागेर वट्टलांवां पानां हाडपाक गेली. ताजो रोस काडून पुताक दिवपा खातीर म्हूण तिणें वच्या वेळार राम न्हिदिल्ले कडसूनच दोळे उगडून पळयतालो."आमा, आमा" म्हूण ताणें आपयलें. कोणू येना. "आमा" म्हूण तो व्हडान वदरलो. पोटाक भूकय लागिल्ली. चल्यान वदरिल्लें आयकून सत्यभामा धांवत आयली. तागेलें तोंड पळयतनाच तिजो आवरो उडलो. लागीं वचून चल्याक हात लावन पळयल्यार तो हात झुप्प करून फाटीं

आयलो. "हांवें येवजिलें तशेंच जालें!" म्हूण तिणें ओंठ चाबले. तिगेलें हड्डें धडधडपाक लागलें, तोंड बावलें. "आजे, आमा खंय? पोटाक भूक लागल्या" रामान म्हळें. चल्याक एकट्याकच सोडपाक मन जायना जावन ताका घेवनच ती रान्नी कडेन आयली. तांदळा कण शीत जावन उदकांत नांचताले. "शिजली तशी थोडी पेज लायतां, पुता" म्हळें. तोवेळ मेरेन तिजें धैर्य सगळेंच ना जाल्लें. ती एक सारकी रडपाक लागली. "आजे, रडटा कित्याक?" म्हूण बाविल्ल्या तोंडान चल्यान तिका विचारल्यार आजेक तोंड खंय सुटटा? हें पळोवपाक नागवेणीय पावली. वडट्टलांवां पानां तिगेल्या हातांत आशिल्लीं. पिशेभशेन ओंठ मुखार करून रडपी मांयचेर तिगेली नदर गेली. "मामे, तुमकां पिशें लागलां? आंग मातशें तापल्यार कितें जाता खंय! हांवें ताजो खतखतो काडलो. दृश्टय काडली. वडट्टलांवां पाना हाडल्यात पळया. तीं तापोवन थोडो रोस कपलाक लायल्यार जोर वचनासतना रावता?" म्हळें. रामान "आमा, आजी रडटा कित्याक?" म्हूण विचारलें. "कसलो तरी कोयर तांगेल्या दोळयांत पडलो" म्हूण तिणें जाप दिली. "मामे, तुमी भुरग्या परस ल्हान?" म्हूण नागवेणीन मांयक विचारलें. "न्हय धुवे, म्हाका म्हज्या फाटल्या कर्माची याद जाता" तिणें म्हळें.

मांयकडसून चल्याक घेवन नागवेणी रान्नी सामखार आयली. "पुता, आतां पेज जाता. न्हिवोवन लायतां" म्हूण म्हणत ताका वखद करपाक गेली. चलो रान्नी मुकार बसलो. आवयन शीत वाळलें. काडिल्ल्या निसांत परतून थोडें शीत घालून उज्यार दवरून पेज केली. मिठाकणी तोंडाक लावन चल्याक जेवयलें. लोणचें सोंपिल्लें. घरांत दूद, ताकाचें नांव नाशिल्लें. गोड उतरांनी त्या चल्याक जेवण सुरबूस लागतालें. रामान जेवन जालें. "आमा, तुगेल्या पांयार न्हिदूं?" म्हूण विचारलें. तिणें पांयार चल्याक न्हिदयलें. रामाक खेळाची याद जावन "आमा, त्या बंडी भीमान चिरमुल्यो खाल्यो. म्हाका इल्ल्योय दिल्यो नात" म्हळें. "पुता, सालीग्रामचो तेर जातलो, आनी आठ दिसांनी. त्या दिसा हांव तुका चुरमुल्यो घेवन दितां" म्हळें. आवयकडेन उलयत पुरो जावन चलो न्हिदलो. ताका मांड्रेर न्हिदावन आपणालो एक कापडा कुडको ताका पांगरून ती आयली.

शीत जालें. पूण 'कालोवपाक कितें' म्हूण नागवेणीन विचार केलो. कसलीच शाकभाजी नाशिल्ली. थोडें चिंचे उदाक करून तातूंत मीठ मिरसांग घालून रान्नीर दवरलें. निसाचो सार करया म्हळयार तो न्हिवन दाट जाल्लो. केल्लें तितलेंच पुरो अशें दिसून "मामे, न्हावन जालें?" तिणें म्हळें. मांयन दोळया दुकांनी न्हावन जाल्लें. ती न्हावनय आयली. जेवपाक दोगांय बसलीं. नागवेणीन मांयचे कडेन पळयलें जाल्यार ती एकेक कण ताळया सकल धुकळटा अशें दिसलें. तिका राग आयलो "मामे, तुका पिशें लागलां! म्हगेल्या चल्याक कांय जायना. आत्त्या वतना ताका आशीर्वाद दिवन गेल्या. तिगेले पुण्यायेन ताका कांय जावचें ना... ओगी जेवन घेयात पळोवया" म्हळें.

जेवन जालें. त्या दिसूयभर सत्यभामा चल्या म्हन्यांतल्यान उठली ना. सांजे चल्याक हूम सुटली. "देवासायबा" म्हूण तिणें देवाचे उपकार मानले.

सोमाराच सालीग्राम जात्रा आशिल्ली. नागवेणी गुरवार आसतना घोवा वांगडा वचून आयिल्ल्या कुलदेवाचें देवूळ तें. ताजी तिका याद जाली. पुताक चिरमुल्यांचीय इत्सा जाल्ली. 'जावं, पुताक कितली आशा जाल्या! ताका घेवन चिरमुल्यो घेवन दिवपाकच

जाय' अशें तिका दिसलें. पूण जात्रा म्हळ्यार अशीच जाता? एक आणो तरी नाका? घरांतल्यान नाल्ल जरी व्हेलो तरी केळीं जाय, देवाक काणीक घालका, चिरमुल्यांकय पैशे जाय. सगळो मेळन एक आणो तरी जातलो. तो खंयच्यान हाडप? नागवेणीन मांयचे कडेन हो प्रस्न काडलो. "चल्याचो जोर काडल्यार नाल्ल-केळीं दितां म्हूण हांवेंय सांगून घेतिल्लें. देवान आयकून म्हजी मर्याद राखल्या. हांव तेरा वेळार वतलीच. एक शेर तांदुळ विकून जाले तरी तेराचो खर्च काडया" म्हूण मांयन म्हळें.

तेराचो दीस आयलो. गांवचे लोक सगळे सालीग्रामाक भायर सरले. पोरनो परकाळो एक चल्याल्या कमराक गुटलावन मांय-सून दोगांय जात्रेक भायर सरलीं. थंय पावता म्हणसर तिगेलो सानबाप्पा दिसलो. नागवेणीक तांकां तोंड दाखोवचें नाका अशें दिसलें. "मामे, दुसरे वटेन वचया" म्हूण लोकांमदीं तिणें ताका चुकयलें. अशें तिणें कित्याक केलें तें मांयक कळळें ना. पूण देवाले गर्भकुडीक प्रदक्षणा घालून, नाल्ल फोडून घेता आसतना हांकां पळोवन सामखाराच येवन उबो राविल्ल्या सानबाप्पाक चुकोवप कशें साध्य जायत? नारायणमय्यान मुखार येवन "नागवेणी..." म्हळें. नागवेणी भागून अर्द हाडकुळी जाल्ल्यान ती कोणाल्याय लक्षांत आयलेबगर रावनाशिल्ली. जात्रेक तिणें न्हेशिल्लें कापड पोरणे आशिल्लें! गांवांतल्या सगळ्या लोकांनी नवें कापड, नवें आंगाक घालचो दीस. तिगेल्या चल्याक पिंदिल्लो परकाळो न्हेसयिल्लो. "नागवेणी" म्हूण म्हळें नंतर "कितें सानबाप्पा?" म्हूण नागवेणीन म्हळें. तिज्या दोळ्यांतल्यान लज ओतताली, तर ताज्या दोळ्यांतल्यान कळवळो उफेतालो. दोनय दोळ्यांचो संवाद जालो. दोगांय लोकांमदीं उलोवपाक तोंड येना जावन ओगी रावलीं . "रामा, यो" म्हूण नारायणमय्यान चल्याक उखलून घेतलें. "तुका जात्रा दाखयतां" म्हूण थंयसून भायर व्हरून जवळी मांडार घेवन गेले. एक गेन्यागेन्याचें लांब आंगाचें घेवन रामाक घालें. "हें म्हाका काय कितें!" ताणें विचारलें. "हय पुता" म्हूण तांणी म्हळें. "तो म्हाका जाय" म्हूण तांणी धरिल्लो आपणालो पिंदिल्लो परकाळो तांचे कडसून ताणें ओडून घेतलो. उपरांत त्या चल्याक एका हॉटेलांत घेवन गेले. थंय ताका एका आण्याच्यो साखरेच्यो कांड्यो घेवन दिल्यो. रामान नारायणमय्याले पोले धरून "तुमी बरे!" म्हळें. नारायणमय्याक संकोच जालो. "हांव आनी कसलो बरो पुता" म्हणत चल्याल्या खिश्यांत एक आणो दवरून ताका आवयकडेन सोडलें.

"नागवेणी, आतां सगळीं ऐरोडीक येवन सोडात. सांजे कोडीक गेल्यार जावचें ना?" म्हळें. "गोरवां आसात" नागवेणीन म्हळें. "हांव गोरवांक पळयतां. चलो ऐरोडी वचून येतलो" म्हूण सत्यभामेन म्हळें. नागवेणीक उलोवपाक जालें ना. तिगेलें मन "नाका" म्हणटालें. पूण सानबाप्पालो आगरो, तांची माया, शिवाय एक दीस तरी चल्याक पायसाचें जेवण मेळटा जाल्यार तें आपणें चुकोवचें न्हय म्हूण तिणें तें मानलें. "तुमीय आयल्यार बरें जातलें" म्हूण सत्यभामेकडेन पळयत नारायणमय्यान म्हळें. "गोरवांक गोठ्यांत बांदून फकत एक काट तण मात घालून आयिल्लीं. तांकां उपाशी दवरप?" म्हूण सत्यभामेन म्हळें.

दुसरो उपाय ना जावन नारायणमय्याक नागवेणी आनी रामाक घेवन घरा वचचें पडलें. नारायणमय्यान "तुवें एकट्यानच चल्याक केदो वेळ घेवप? हांवें घेतल्यार म्हजें

हात कांय मोडचे नात," म्हळें. "नाका, तो थोडोवेळ चमकतलो" म्हूण आवयन म्हळें. "आमी घरा पावपाक जाय मूं?" म्हूण ते हांसले. सगळे जाण सूर्य मात्यार येवचे पयलीं ऐरोडीक पावले. सरसोतीले काशीयात्रे उपरांत आतां घरांत पांय दवरपी नागवेणीलें रूप नारायणमय्याल्या घरांतल्यांक वेगळेंच दिसलें.थंय तिका खूबच आदर सत्कार मेळ्ळो. रामाकडेन सगळे जाण मायेन उलयताले. दनपारां जेवणाक वडे, पायस बी वाडिल्लो. राम आवय म्हन्यांत बसून जेवता आसतना ताणें आवयल्या कानात, "आमा, आमगेर हें सगळें करनात कित्याक?" म्हळें. "करया पुता" म्हूण नागवेणीन ताका सांगलें. तिगेल्या दोळयांतलो एक थेंबो पायसांत पडलो. भायर सरपी दोळया दुकां पदरान दंयचे थंय तिणें पुसलीं. दनपारचें जेवण जालें तशीं सगळीं उलोवपाक बसलीं. नारायणमय्याल्या घरांतल्यान सांजे तेराक वचपाचें केल्लें. "नागू, आज तूं हांगा रावता न्हय? तूं रावता जाल्यार आमी तेराक वचनात, हांगाच रावतात" म्हळें. "मांयन एकट्यानच घरांत रावचें पडलें ना?" म्हूण नागवेणीन घरा वचपाचो हट्टच धरलो. "रामा, घरा वचया मरे?" म्हळें. "जायत आमा" म्हूण तो तयार जालो. नारायणमय्याली बायल सभावान कडक आसूनय तिका नागवेणीक पळोवन खूब वायट दिसलें. आपणाल्या घरा वचपाक भायर सरिल्ले धुवडेक "नागू, तूं खूबच हट्टी. तुका सांगूनय उपयोग ना. चल्याक चार दीस हांगा दवरता?" म्हळें. "म्हाका आनी कोण आसा?" म्हूण नागवेणीन म्हळें.

थोड्या वेळान नागवेणी चल्याक घेवन भायर सरली. न्हंये पलतडेन मेरेन नारायणमय्या आयले. तांकां हेवटेन पावोवन ते घरा गेले. त्या दिसा घरांत सगळे जाण नागवेणीली खबरच उलयताले.

सांजे आंगणांत राम खेळटालो. झुप्प करून ताका जात्रेची याद आयली. "आमा, जात्रेंत चिरमुल्यो आयिल्ल्यो?" म्हूण ताणें विचारलें. नागवेणी ते विसरली नाशिल्ली. पूण सानबाप्पा मुखार ते घेवपाक तिका बरें दिसलें नाशिल्लें. आंता तिगेलें तोंड बावलें. "म्हजे यादीक उजो लागूं" म्हूण तिणें म्हळें. पूण सत्यभामा ते विसरली ना. "हांवें हाडल्यात नागू" म्हूण एक मूठ चिरमुल्यो जमीन पुसून चल्या मुखार घाल्यो. "उल्ल्यात ते फाल्यां खा" म्हळें. "जायत" रामान म्हळें. त्यो चुरमुल्यो एकेक करून वेंचून ताणें खाल्यो. खावन जाले उपरांत सदां भशेन जाण्ट्यां वांगडा तळयार, बांयचेर, गोठ्यांत असो भोंवलो.

रातीं नागवेणी चल्याक लागीं घेवन न्हिदली. न्हिदचे पयलीं "तुगेली नवी आंगी काडया" म्हळें. "आसूं आमा, काडनाका. ती चंद आसा" ताणें म्हळें. चलो सकाळमेरेन ते घालून न्हिदलो. रातीं नागवेणीन चल्यालें आंग पोरशिल्यार तें आंगलें तिजो हात आडायतालें. आंगलें तिका आपण्याले दुर्दशेची याद दितालें. ते यादी वांगडाच आपूण गुरवार आसतना घोवा बरोबर तेराक वचून आयिल्लीय याद तिका उफेवन आयली.

जात्रा सोंपली तरी ताजी खबर सोंपली ना. जात्रेची खबर उलोवन उलोवन सोंपिल्ल्या दुसऱ्याच दिसा वेगळेच तरेची खबर गांवांत येवपाक लागली. कोडी, मण्णूर, पैसलें उडुपी अशा ते जाणा जाल्ल्या सगळ्या गांवांनी मरणाचो आकांत सुरु जाला म्हळ्ळी खबर कानानी येवपाक लागली. कसलो तरी जोर येता खंय; भोंवतणे खंय खंय तो आयला. येता तो घरच्या सगळ्यांक घेवनच वता खंय, म्हूण भोंवतणच्या गांवांतसून

भयंकर खबर येत आशिल्ली. "खरें काय तें मामे" म्हूण नागवेणीन विचारलें. "खरें काय तें सुरा?" म्हूण सत्यभामेन विचारले. "खरें काय भाटकान्नी?" म्हूण ताणें विचारलें. अशे सगळे जाण एकमेकांक विचारताले. "कसलो जोर? कसलो रोग?" म्हूण विचारल्यार 'प्लेग खंय' म्हळें. नागवेणीन तो वेळ मेरेन तसले पिडेचें नांव आयकलें नाशिल्लें. "आनीक एका वर्सा, रेशमी कांकणां उलयतात" म्हूण गांवांतल्या बायलांनी आपणालीं कांकणां काडून उडयिल्लीं. तसली काणी म्हूण हांसून ती खबर फट म्हूण सगळयांनी समज करून घेतलो.

तशें हांसून दोनय दीस गेले नात, सुरान हांतुळन धरिल्ली खबर तांगेर पावली. तळयार आयिल्ले तागेले सुनेकडसून ही खबर कळळी. त्या दिसा सांजे ती सूनय न्हिदली म्हूण खबर आयली. दुसऱ्या दिसा 'सुरागेरच्यांक सगळयांक जोर' म्हूण कळळें. सत्यभामेक खंयचेंच खरें दिसलें ना. थंय वचून पळोवया म्हूण ती गेली. गेल्ले घटकेक सुराले स्मशान यात्रेची तयारी चलताली. तागेली व्हडली सूनय जगत म्हूण दिसना म्हणटाले. भिवन कळवळयान ती घरा धांवन आयली. "अशी विचित्र पिडा कसली? वायद्या ताप जाल्यारय पंद्रा दीस जोर येवपाक जाय. आज जोर येवन फाल्यां मरचें म्हूण आसा?" भिरांतेन तिणें म्हळें.

ती रात सोंपून सकाळ जा मेरेन सत्यभामेलें आंग जोरान फणफणटालें. तेन्ना नागवेणी कंगाल जाली. घरा पोरसांतलो पालो शिजोवन तिणें कसाय केलो. "शीनमय्याल्या चल्याल्या घरांत जावं, सुब्राय उपाध्यायाल्या घरांत जावं वचून वखद विचारया" म्हळें. उपाध्यायाल्या घराकडच्या आवाऱ्यार चलतनाच थंयसून बोब आयकली. थंय वचपाचें नाका म्हूण पांय फाटीं घेतले. थंयसून ती घायसोक्यातच मय्यागेर आयली. चौकेर एक म्हातारी बशिल्ली. नरसिंवाली आवय ती. तिच्या सामखार रांगेंत चार मांड्यो हातुळिल्ल्यो. नागवेणीक पळोवन ती म्हातारी रडली. "कितें करतात?" म्हूण नागवेणीन विचारल्यार "देवाकच खबर!" म्हूण जाप आयली.

नागवेणी थरथरत आपणाल्या घरा परतली. सांजे तिगेलो चलो जोरान पडलो. दोनूय हांतुळणामदीं ती विचार करत बसली. आपणालेंच वखद म्हूण निरवळी तणाचो कसाय करून तांकां तिणें दिलो. खंयच्याय जोराक दिवपाचो तो हाकाय दिलो. जोर आयिल्ल्यांक राखपाक राती बसली जाल्यार तिजें आंगय तापलें. आपूणय कसाय पिली. सकाळ जावपावेळार एकमेकाकडेन उलोवपाक तांकां जालें ना. रामाक जोरान भान नाशिल्लें. सत्यभामेलो आवाजच नाशिल्लो. नागवेणी न्हिदिल्ले कडेनच आशिल्ली. गांवचो गांवच मसण जायत आसतना तिजें घर वेगळें कशें आसत?

दीस कशे गेले, वरां सोंपलीं काय युगां सोंपलीं हें न्हिदिल्ल्यांक कळनाशिल्लें.

नागवेणी भानार येवन, आपूण खंय आसां हें तिका ध्यानांत यो मेरेन दोन दीस सोंपिल्ले. तिका चल्याची याद नाशिल्ली. घराचीय याद नाशिल्ली. आपूण कोण, आपणाक कितें जाता हाजीय सुद्द नाशिल्ली. भात फुलोवन केल्ल्या ल्हायांची पेज कोण तरी चिपटान तिगेल्या तोंडांत घालतालो. तिसऱ्या दिसा ती सुद्दीर आयली. चवथ्या दिसा तिणें दोळे उगडिल्ले तेन्ना तिजो जोर देंविल्लो. कूड आपणाली न्हय असो भास जातालो. आपणाल्या तोंडांत पेज घालपी, आपणालो सानबाप्पा नारायणमय्या म्हळें तिका तेन्ना

ध्यानांत आयलें.

"सानबाप्पा, हांव खंय आसां?" म्हूण तिणें विचारलें.

"तुज्याच घरांत..."

"तुमकां कोणें सांगून धाडलें?"

"आयकून हांवच भिवन धांवन आयलों."

आपूण भिवन वखदां खातीर भोंविल्ली तिका याद जाली. तें कित्याक जाय आशिल्लें तेंय लक्षात आयलें. चल्याचीय याद जाली. सट्ट करून कूस परतीत "चलो? मांय?" तिणें विचारलें. मांय आनी चलो लागीं न्हिदिल्ल्याची तिका याद आशिल्ली. पूण आतां थंय कोणच नात. दाव्यान उजव्यान पळोवन "अय्योऽ!" म्हळें. "भिवं नाका, चल्याक आमगेर व्हेला. ताका आतां बरें आसा. "मांय?" म्हूण विचारिल्ल्याक नारायणमय्या उलयले नात. "मांयक कितें जालें? तांकां कोणें व्हेलें?" म्हूण विचारिल्ल्याक "देवान" म्हूण म्हळे शिवाय तांकां उपायच नाशिल्लो. तें आयकून नागवेणीली सुद्दच गेली. तातुंतल्यान सुद्दीर आयल्या उपरांतय तिजें रडणें थांबलें ना. "तुवें अशें रडल्यार, कशें? त्रास जातलो. रडनाका थंड न्हीद. गेल्लीं परत येतात तशें?" सानबाप्पाक तिचें समाधान म्हूण करचें पडलें तें सांगपाचें न्हय.

नागवेणीलें लक्ष मांयचे वयल्यान पुताचेर गेलें. "म्हगेलो रामय ना. फट सांगतात तुमी... तोय गेलो... सुराल्या घरांतले भशेन..." म्हळें. "ना नागू, चलो आसा. आमगेर ताका व्हेला. हांगा पळोवपाक कोण ना म्हूण... कालच ताजो जोर सुटला" म्हळें. "तुमी फट सांगतात... म्हाका सगळयांनी सोडलें... तुमी तरी येवन म्हाका वांचयलें कित्याक?" म्हूण आकांतान रडली. "नागू, तुज्यान तर, तुगेलो चलो आसा. फाल्यां हांवें हाडले नंतर पळयतलें न्हय? आतां न्हीद पळोवया..." नारायणमय्यान म्हळें. "मांयगे..." म्हूण तिणें हुंदको फोडलो. मांय आनी पुताल्या कळवळयान जाल्ल्या त्रासांनी तिका जोर आयलो; तिजेर दुःखाचो हुंवार आयलो आनी तिज्या संसाराचेर प्रळय पातळ्ळो. नागवेणीचो गेल्लो जोर परतून बादलो. आनिकूय चार दीस सुद्द नासतना त्राण ना जावन वळवळचें पडलें. एक पटी तिजें मन आपणाल्या पुताकडेन तर दुसरे पटी आपणा वांगडा इतले दीस गरिबीच्या नरकात वांटेकार जाल्ले मांयकडेन घुंवतालें. आपणें आदीं केन्नाच आयकले नाशिल्ले आनी उपरांत अणभविल्ले विचित्र पिडेचें भयंकर चित्र तिज्या दोळयां सामखार अंतपार नाशिल्ल्या काळयाकुट्ट दर्या भशेन उफेतालें "कितें? गांवचो गांवच सोंपलो काय? ही पिडा आमगेल्या वाड्यावेल्यांकच लागली...?" तिणें आपणाली उसाबर करपी सानबाप्पाक विचारलें. "तुमच्या घरांत बी?" म्हूणय विचारलें. "ती गेली; हो सोंपलो" म्हळी जाप मेळ्ळी. "सुब्बीगेर..." "खबर कशी कळटली?" जाप आयली.

नागवेणीलो जोर ना जावन आज पांच दीस जाल्ले. चल्याक पळयनासतना ती सामकीच भियेल्ली म्हूण रामाक थंय हाडलें. त्या आंगान काडी-बडी जाल्ल्या आवय-पोराचें मीलन मन हालयतालें. चल्यालें आंग पोरशीत नागवेणीन "मांयलो बारावो जावपाक जाय न्हय? कोण करतलो?" म्हळें. "हय, पूण ताणे येवपाक जाय न्हय? तो खंय आसा म्हूण पयलीं कळपाक जाय" नारायणमय्यान म्हळें आऩी कितें करचें तें कळनासतना मय्यागेर गेले. मय्यागेरय सुतक आशिल्लें. त्या घरांत म्हातारेक आनी दोग जाणांक

मरणान तोंडांत घेतिल्ले. नरसिंव भिवन धांवत आयिल्लो. ताणें त्या वाठारांतय हे नवे पिडेन केल्ली हावळ सांगली. आवय मेली म्हूण ताका वायट दिशिल्लें. घरांत आयिल्ल्या नारायणमय्यान "नरसिंवय्या, सगळया गांवाकच आयिल्ली ही पिडा म्हूण तुमी जाणात. आतां कोणें कोणाखातीर रडप? रडून जातलें कितें? आमगेरय अशें जालें. एकेक कडेन मडीं काडपाक कोण नासतना घराचें घर मातयेभरवण जाल्लें आसा खंय" म्हळें. हांगची थंयची खबर आयली. "आमगेले नागवेणीली मांय भायर पडली. तूं आवयक जोर आयला म्हूण कळिल्ल्यान घरा आयलो. पूण आमगेल्या जांवयाक कळोवया म्हळयार तो खंय आसा म्हूण कळप कशें? मेल्ली काय परत येवपाची ना. पूण एकेक पिंड तरी तांकां घालचे नाका? पूत आसतना हें कोणेय तरी कित्याक करप?" म्हळें. त्या उतराक नरसिंवय्यान "तो मैसूरांत म्हज्या भावा वांगडा बरे मजेंत आसा म्हूण आयकतां. पयसो आयलो तसो सट्टो, जुगार आनी हेर व्यसनांर वाट लायता. आतां कितें, आनी चड दीस ताजो खेळ चलत अशें दिसना" म्हळें.

तितलें समजून घेवन नारायणमय्या नागवेणीगेर परत आयले. "जांवयालो मैसूरचो पत्तो कळ्ळो. तार दिवन पळयतां. 'येता जाल्यार कळय' म्हूण दितां. आयल्यार बरें जालें. नाजाल्यार कितें तरी करपाकच जाय" म्हळें. "नागवेणी, आमगेरय ती पिडा धिंगाण घालून गेली. ह्या घरांतय सुतक आसा, त्या घरांतय सुतक आसा; पूण थंय रांदपाचें तरी त्राण आशिल्लीं एक दोग जाणां आसात. म्हाका हांगाच बसून रावपाक जाता? यो, आमगेर वचया. हिजो बारावो जालो तशें जाय जाल्यार तुका परत येवपाक जातलें. ताजे पयलीं तो आयल्यारय तुका येवपाक जाता" म्हळें.

"म्हाका तशी हातपांय हालोवपाची ताकत आसा. रांदप करपाक जातलें. तुमी घरा वचात. म्हजी काळजी करनाकात" नागवेणीन म्हळें. नारायणमय्याक इल्लो रागच आयलो. "धुवे, सदां तुगेलो हट्ट धरून बसनयो. व्हडान सांगिल्ल्याक मात मान तरी दी" तांणी म्हळें. तांचें मन दुखलें म्हूण येवजून "बरें येतां. वत उणें जातकच वचया. पूण अशें हांव उठून गेल्यार गोरवांक निवळ, खावड बी घालतलो कोण? पाडपडूं म्हजी याद. आतां मेरेन म्हाका तांची यादच जाली ना" नागवेणीन म्हळें. "गोरवांक आमगेर धाडल्यां. थंय राखपाक तरी मनशां आसात. हांगा गोरवांक बांदपाकच कोण ना जावन गांवातलीं गोरवां हांगाथंय भोंवत आसात" म्हूण सानबाप्पान जाप दिली. त्या दिसा सांजे वत मोव जाल्लें पळोवन दोगांनीय ऐरोडीची वाट धरली. मदीं मदीं रावत नागवेणी वाट चलताली. चल्याक नारायणमय्यान घेतिल्लें. "पळय, तुका रांदपाक जातलें म्हणटालें न्हय? जोरान पडप म्हळयार कितें खेळ तर?" तांणी नागवेणीक म्हळें. न्हंयतल्यान वतना रामान "आमा, हांव व्होड जालो नंतर तुका उखलून घेतलों" म्हळें. नागवेणीक हांसो आयलो. "जायत पुता" म्हळें. पुताल्या असल्या उतरांनीच गरिबी आनी विरहान कंगाल जाल्ल्या तिगेल्या मनांतलो काळोख केन्ना केन्नाय मिणमिणटालो. एक खीणभर तरी जोगूल झगझगतालें आनी काळोख ना जावन आशेचें किरण झळकतालें. न्हंयेंतल्यान वयर येतना चल्यान "आमा, आजेक थंयच सोडून आयले न्हय? तिणें येवचें नाका?" म्हळें.

"आजी आनीक खंयचान येतली पुता?"

"आजी गेली तर? सालिग्रामा तेराक गेल्या?"

"तशें सगळें उलोवंनयो पुता."

"कित्याक?"

"तुका कितें कळटा पुता? तांकां मरण आयलें म्हळयार तुका कितें कळटलें?"

"म्हाका व्होड जातकच कळटलें? व्होड आजी न्हिदिल्ले भशेन ही आजी न्हिदिल्ली न्हय, पैर?"

"हय पुता."

चल्याल्या उतरांनी नारायणमय्यालें काळीज कळवळटालें. "पुता, उलयल्यार तुका त्रास जातलो. म्हज्या खांधार ओग्गी न्हीद पळोवया" तांणी म्हळें. चलो न्हिदलो. एके घटकेंत पावचे कडेन दोन घटका चलत तांणी घरांत पांय दवरलो. नागवेणीक एका रानांतल्यान दुसऱ्या रानांत आयिल्ले भशेन दिसलें. पूण एक दादलो सानबाप्पा, हातपांय हालयत, आपणालें दुःख परगटायनासतना मन घट्ट करून फिरतालो देखून सगळयांक आपणालें दुःख विसरप साध्य जातालें.

नारायणमय्यान हंगारकट्टे बंदरार वचून थंयसून म्हैसूराक तार धाडली. लच्चाचेर भरवंसो नाशिल्ल्यान, परत जापेक लागता ते पैशेय भरून ते आयले. दुसऱ्या दीसा न्हय, तिसऱ्या दिसा तागेली जाप आयली. ती जाप नागवेणीक दाखयली. "जावं, आवयची याद तरी तांकां जाली न्हय? 'पिंड घालपी नासतना हांवें मरप काय?' म्हूण मांय आसतना रडिल्ली. तशें जावचें न्हय म्हूण देवान उपकार केलो" म्हूण नागवेणीक दिसलें.

आवयल्या मरणाचो णववो दीस आसतना लच्चा पावलो. सुतक बी आपणाक कांयच लागना अशे भशेन तो आंगार बरे कपडे घालून मोटारींन गांवांत आयिल्लो. मोटारीवेल्यान देंविल्लोच नारायणमय्यागेर आयलो. थंय नागवेणी आनी चलो आसात म्हळळें तो नकळ आशिल्लो. तागेर येवन भायर सोप्यार बसलो. कोण तरी बरे कपडे बी घाल्लो आयला म्हूण कळून घरा भितर आशिल्ले नारायणमय्या भायर आयले. पळयल्यार हो सावकार! "तानेक हाडतां" तांणी म्हळें. "म्हाका तें कांय नाका... मुखाल्लें कितें तें सांगात. थंय घरांत आतां कोण आसात? ती आसा?" लच्चान विचारलें.

"कशे भशेन वांचल्यांत. तुगेली आवय मात भायर पडली. ती मरच्या वेळार सगळयांनी हांतुंळण धरिल्लें. गांवांतल्यांक कांयच खबर नाशिल्ली. हांव पाविल्लों तेन्ना एक रात तशीच सोंपिल्ली. निमाणें तुगेले आवयक हांवें एकट्यानच उखलून व्हरून घरा फाटल्या आवाऱ्यार लासचें पडलें" नारायणमय्यान सगळी खबर सांगली.

"जोर येतकच म्हाका कळयल्यार हांव येनाशिल्लों?" लच्चान म्हळें.

नारायणमय्याक आपणें लच्चाकडेन चड उलोवपांत अर्थ ना अशें दिसलें. "तूं आतां बाराव्याची तयारी कर. नागवेणीलीं अशक्तपणा अजून गेलीं ना. तिका कसलेंच काम करपाक जायना. तुका अडचण जायना जायत तर हांगाच सगळें कर" तांणी म्हळें. "तीं खंय?" लच्चान विचारलें. ताका तांणी भितर आपोवन व्हेलें. नागवेणी माते सकल घालून बशिल्ली. राम भितर कुडींत न्हिदिल्लो. तो बापायले नदरेक पडलो ना. तसोच तो उलयनासतना भायर सरलो

"पयलीं ओरटागेर वचून येतां. थंय कशें आसा तें पळयता.राती जेवणाक पावतां"

अशें म्हणत लच्चा सडसडीत चलपाकच लागलो.

नारायणमय्यान भितर वचून "तुगेल्या घोवाक हांगा जमचें ना अशें दिसता. ओरटागेर वचून येता म्हूण गेलो" म्हळें. "तुमचें काम तुमी करात, तांका देव कशी बुद्द दिता तशें करू" नागवेणीन जाप दिली.

राम जागो जावन आवय म्हऱ्यांत आयलो. नागवेणीक चल्याक नांव दवरिल्ल्या दिसाची याद आयली. "पुता, तुगेले बापूय आयल्यात" तिणें म्हळें. "तशें म्हळयार कोण, आमा?" रामान विचारलें. "पुता, सानपणांत तुका हांडीर घेतिल्ले ते" तिणें जाप दिली.

"आतांय हांडीर घेतले? नाका, म्हाका कोणेंय उखलून घेवचें नाका. म्हाका आतां चमकुवपाक कळटा, न्हय आमा?"

"हय पुता, तूं आतां खूब व्होड जाला."

"म्हाका फाल्यां मिश्यो येतल्यो. तेन्ना तुजे येदोच हांव जातलों" ताणें म्हळें. आवय खोशेन हांसली.

ओरटागेरच्यान लच्चा येतलो म्हूण नारायणमय्या ते रातीं वाट पळयत बसले तरी तो आयलोच ना. दुसऱ्या दिसा थंयचो एक मानाय येवन "ते सगळे शास्त्र थंयच करतात खंय; थंय सगळी व्यवस्थाय आसा!" म्हूण सांगून गेलो. मांयचो बारावो मय्यागेर करतले जाल्यार आपणें थंय आसचें पडटलें काय नाका म्हूण नागवेणीक समजून घेवपाचें आशिल्लें. "थंय म्हळयार ओरटागेर काय आमगेर?" म्हळळें विचारून घेवन येवपाक एका मानायाक धाडलें. घरांत जाल्यार नागवेणीन बेगीन वचपाक जाय न्हय? त्या मानायाकडेन "ओरटागेरच करतले. नागवेणीक बरें नाशिल्ल्यान तिणें घरा येवचें नाका" म्हूण लच्चान सांगून धाडलें.

मांयचो बारावो आपणाल्या दोळयां सामखार ना काय म्हूण नागवेणीक वायट दिसलें.

"ताका जाय तशें करूं. ताजें पाप पुण्य ताकाच" नारायणमय्यान म्हळें.

पांच स दीस मेरेन भोजो, वैकुंठ समाराधना बी गडगंज जाली. भटांक बरी दक्षिणाय मेळळी. तेराव्याक नारायणमय्याक आपोवणेंय आयलें. ते नागवेणीक आपोवन घेवन थंय गेले. त्या दिसा सकाळींच वचून "ब्राह्मण संतर्पण तरी तुमगेल्या घरांत कर. रांदप थंय केल्यारय जाता. ब्राह्मणांक घरांत अन्न वाडपाक जातलें" अशें तांणी म्हळें. दोनूय घरां लागीं आशिल्ल्यान अशें करचे अडचणीचे नाशिल्लें. पूण "विकिल्लें घर आमगेलें घर कशें जाता?" म्हूण लच्चा व्हडपणान उलयलो.

नारायणमय्या ल्हान तोंड करून नागवेणी कडेन आयले. नागवेणी तेन्ना हट्टान आपणाल्या घरा आयली. चल्याक घेवन नारायणमय्या तिका घरा पावोवन आपणागेर वचपाक गेले. वतना तांगेलें मन खतखतताले, "धुवे, तो आयल्यार जाप दिना जाल्यार बरें" ते शिटकावणी दिवन गेल्ले.

दुसऱ्या दिसा आपणें विकून उडयिल्ल्याच घरांत लच्चा आयलो. "तुमी हांगा रावचें नाका. तुमकां म्हज्या वांगडा मैसूरा घेवन वचपाचो विचार आसा. तरी तुगेल्या सानबाप्पाक विचार. ताणें 'जायत' म्हळयार म्हज्या वांगडा यो." ताणें नागवेणीक सांगलें. त्या उतरांतय एके तरेचें कुसडेपण दिसतालें. नागवेणीक तें लागलें. "तांकां विचारचेंय नाका.

कोणाकय विचारचें नाका... म्हाका कळटा, जांचे तांचे तकलेर जांचो तांचो भार आसता'' तिणें म्हळें. लागींच टुकुटुकू पळयत उबो आशिल्ल्या रामान ''आमा ते कोण? आमी हांगा रावया, तांच्या वांगडा वचपाचें नाका'' म्हळें.

लद्याक नाकार खरपिल्ले भशेन जालें. ''त्या चल्याकय तितलें उलोवपाचें शिकोवन दवरला न्हय! जावं'' इतलें म्हणत तो वचपाक लागलो. नागवेणीलें तोंड चिचोंद्रे भशेन जालें. ती चिंतेस्त जाली. दुसऱ्याच खिणाक कसली तरी याद जावन ती रडली.

O

21

नागवेणीन आपणालो फुडार ठरोवपाचो खरो वेळ आतां आयलो. तिगेलो संसार म्हळ्यार राम एकटोच. कांयच कळयनासतना लच्चा मैसूराक गेल्लो. ताणें आपयलें तरी नागवेणी ताच्या वांगडा वचापाक तयार नाशिल्ली. तिगेलें मन सामकेंच मोडिल्लें. तें तुटिल्लें मन परतें एक जावपासारकें नाशिल्लें. "म्हजेर तांकां मोग ना जालो तरी व्हड न्हय. आपणाल्याच पुताक पळयनाशिल्लो बापूय खंय आसत!" म्हळ्ळो विचार येवन तिगेलें आंग सळसळिल्लें. मुखार कितें करप? रामाक घेवन आपणाक एकटेकच ह्या येद्या व्हड संसाराक तोंड दिवप साध्य जायत? ह्या व्हड घरांत आपणें आनी आपणाल्या चार वर्सां पुतान कशे दीस काडप? शेत करपाचो भार एकटेक जमत? आतां मेरेन रडपाक तरी वांगडाक आसताली ती आत्या भायर पडली. तिची भांगरा सारकी जीण पयसावन जाल्लो मना घाय पेखता म्हणसर मांय गेली. गोठ्यांत, घरांत, चौकेर, न्हाणयेंत, तळयार, आवाऱ्यार खंयूय गेली तरी थंय येवपी वारो तिका आपोवन सांगतालों. "ह्या घरांत तूं एकटीच चल्याक घेवन दीस काडपाक शकतली? तुका कोणच नात? तुगेल्या दोळया दुकांची हुनसाण लागून नकळ जाल्ल्या ह्या भुरग्याची वाट लागची ना? फाल्यां तूं मेल्यार ताणें कितें करप?" हे प्रस्न सामखार आयले तशें तिगेलें मन गोंदळटालें. भरते-सुकतेच्या जोरान उदकाची वाट आडायिल्ल्यान भोंवरो जावन उदाक खंयचे खंय व्हांवन वता तशें तिगेलें मन धांवतालें. रामालें पडिल्लें तोंड नदरेक पडल्यार मदींच तिगेले ओंठ थरथरताले. दोळया दुकां गळयलीं. "देवान म्हजी ही गत केली!" म्हूण दिसतालें. अशा वेळार बापायगेर वचप? तशें करप म्हळ्यार हार खावप. घोवाकडेन हार घेनासतना जिखतली म्हूण जिद्दीन राविल्ली. निमाणें आपणें भिके अन्नार जगचें पडटलें म्हूण तिका वायट दिसतालें. फकत पेजे निवळ मेळोवपाक झुजत जीण झरोवनय रामाक भिके अन्नार जगपाचो प्रसंग येत म्हळ्ळी भिरांतय आशिल्ली. तागेलो एक मामा डॉक्टर आशिल्लो, दुसरो वकील आशिल्लो, हालींच एकटो शिक्षक जाला. गांवांतले, शेजारचे-पाजारचे कांय जाण शिकून, वाचून जिणेंत बऱ्याक पावल्यात. कोडी, पडुकेरे ह्या गांवची पाल्या भाजी खावन सारचे दीस ना जावन ते नवे तरेची जीण जगपाक लागल्यात. अशा वेळार आपणाल्या चल्याचें कितें करप? पुताचेर आशा दवरून, निमाणें निराश जावन सगळी बदीक आपणाल्या हातार दवरून सोंपिल्ल्या म्हाताऱ्यालो आत्मो ह्या घरा भोंवतणे घुंवले बगर रावत! घरा फाटल्या उंडी झाडा दोंगुल्लेर तांकां लासले न्हय! आपणालो नातू तरी आपणाली इत्सा पूर्ण करता काय ना म्हूण ते पळयनासतना कशे रावतले...!

सत्यभामेलो बारावो जावन एक म्हयनो जालो. एक दोन पटी नागवेणीगेर नारायणमय्या येवन "कितें जाय?" म्हूण विचारून गेले. तिगेलो सभाव जाणा जाल्ल्यान "यो, आतां हांगा रावचें नाका" म्हूण तिका आग्रहान तांणी व्हेलें ना. आगरो करचो सोडच "यो"

म्हूणय म्हळें ना. तें येवजून "हांव येना" म्हूण म्हळळया वेळार परतें परतें आपयलें, भूक नाशिल्ल्याक पक्वान्नां जेवणाक आपयतात तशें. आतां "वचया?" म्हूण विचार करता आसतना कोणच आपयना म्हूण तिका दिसलें.

हांसोय फुलनाशिल्ल्या आपणाल्या तोंडाक आतां तिणें चडच गंभीर रूप दिलें. सदांच ओंठ धांपून उरपाक लागली. "आमा, म्हजेकडेन तूं उलयना?" म्हूण रामान म्हळ्यार "उलयतां पुता, तुजे कडेन उलयना जाल्यार आनी कोणाकडेन उलोवचें पुता?" म्हणटाली. "तशें जाल्यार म्हाका एक काणी सांग" राम म्हणटालो. ती काणी सांगपाक लागताली. खंयसून तरी सुरू करून ती काणी खंय तरी पावताली. काणयेंत रूच ना जावन "आमा, कसली ही काणी! तूं कितें तरी विचार करता... आमा, तुका बेजार आयला? आजी घरा परत येवची ना?" म्हूण राम विचारतालो. गेल्ले आजेली याद जाल्ल्यान पुताक बेजार येता म्हूण भिवन ती ताका भोंवपाक घेवन वताली.

आज तशेंच जालें. तय काय चवथ आशिल्ली. तिळसांजच्या वेळार थोडी पेज शिजोवन, आंगणांत बसून मळबांत उबपी पातळ कुपां आवय पळयत आशिल्ली. राम तिका पळोवन "आमा, दर्याकडेन वचूंया" म्हणपाक लागलो. "पुता, तिळसांज जाली न्हय? फाल्यां गेल्यार जायना?" तिणें म्हळें. "ना, आतांच वचया. हांगा म्हाका बेजार येता. तूंय म्हजेकडेन उलयना" म्हळें.

"दर्यार तुजेकडेन कोण उलयतलो?"

"दर्या."

"तो उलयता सायबा, तुजेकडेन?"

"हय, ताजो म्हजेर मोग आसा. ताका हांव खूब आवडटां. यो आमी वचया" तो हट्ट घेवन बसलो. पुतालो बेजार गेल्यार पुरो म्हूण आपणाल्या बेजाराचें वजें घेवन ती दर्या देगेर गेली. तेन्नाच मळब तांबडें जाल्लें. मळबार तांबश्या रंगाचें लांबच लांब कूप पातळिल्लें. ताजे फाटल्यान आशिल्ल्या सूर्याक लागून त्या कुपाची देग भट्टींत तापयिल्ल्या लोखणा कांबे भशेन दिसताली. त्या उजवाडांत आवयलें तोंड पळोवन "तुगेलें तोंड चंद दिसता न्हय?" म्हूण पुतान म्हळें. नागवेणी हांसली. तिणें पुताकडेन पळयलें. तागेलें तोंड भांगरा उजवाडांत लिंबा भशेन तुकतुकीत जावन शांत दिसतालें. "पुता, म्हज्या भांगरा, तूं भांगरा बावलो कसो दिसता!" म्हळें

रामालें मन भांगरा पाळां उफेवपी दर्या कडेन पावलें. "आमा, कितले चंद!" म्हणत दर्याकडेन हात करत तो धांवलो. ताजे पांय रेंवेकण माडयत मुखार वताले. दर्यांतलें भांगरा उदाक तोंडांत घे मेरेन तागेले पांय थांबले नात. आवय धांवतच येवन "पुता, कितें उदकांत पडता!" म्हळें. चल्याक आंगार भानच नाशिल्लें. "आमा, कितले चंद! न्हय आमा...?" राम भार आयिल्ले भशेन उलयतालो.

दोगांय दर्या वेळेर बसलीं. चलो आपणाले पोले आवयल्या हाताचेर दवरून दर्यांत देंवपी भांगरा सुर्याक पळयतालो. चल्याल्या पांया पोंदा सावन दिगंताचे देगेमेरेन भांगरा रंगाचो रूंद पटो दर्यात पातळिल्लो. सूर्यदेवाक पळयत नागवेणीन दोळे धांपले. तिणें भक्तीन हात जोडले. चल्यान "सूर्य खंय गेलो?" म्हूण विचारलें.

"समुद्रा तळांत गेलो बी आसतलो."

"परतून थंयसून येवचो ना?"

"येतलो पुता फाल्यां. फाल्यां उदेंन्तेतल्या दोंगरावेल्यान येतलो. रात भर ताका भोंवपाक जाय."

"आमा, व्हडली आजी, धाकली आजी तशें भोंवन परत येवपाच्यो नात? तूं अशीं बेजारनाका. त्यो येतल्यो, हांव जाणां."

पुतालीं उतरां आयकून नागवेणीक रडपाक आयलें. "हय पुता, जीण-मरण कोणाक चुकना" तिणें म्हळें. चलो थंयच बसून दोळे बारीक करतालो. नागवेणीकय थंयचें उठनशें दिसलें ना. घरा वचपाक वेळ जायत म्हूण फाटीं पळयल्यार चवथीचो चंद्र उदेतालो. थंयचें वातावरण सगळें शांत आशिल्लें. मनातलें घाय सगळे ना जावन खंयचो तरी सुखाचो हांसो जीण फुलयतालो. चलो न्हिदिल्ल्यान ताका खांद्यार न्हिदोवन नागवेणी घरा आयली. "हांव एक पिशी! देवा कडेन तिळसांजेचो दिवोय लायलो ना. रांदप केल्यार जालें?" म्हूण गडबडीन ती घरा आयली. घरा फाटलो आवारो आयलो. तिगेले पांय एकदम थांबले. मुखार बशिल्लो एक मनीस उबो रावलो. वासुदेवमय्या धुवेगेर आतांच आयिल्ले. घरांत धुवेची वाट पळोवन आवाऱ्या मेरेन येवन बशिल्ले. आनिकूय वेळ जाल्यार पयलींची याद येवन कोडीच्या तोंका मेरेन वचून धुवेक सोदून येताले काय कोण जाणा!

धूव एकटीच आसा म्हळळी खबर भावाकडसून तांकां कळिल्ली. आपणालें उतर नागवेणीकडेन चलचें ना म्हूण दिशिल्ल्यान तांणी भावाकच यो म्हूण कळयिल्लें. आतां ते वकिलींतल्यान मोकळे जाल्ले तरी तांकां फुरसद तशी मेळनाशिल्ली. तेन्नाच तांणी पुतांक मुद्दाम वेगवेगळी घरां करून दिल्लीं. आपापणाली जापसालदारकी तांकां कळळयार बरी, एकाच घरात उरल्यार झगडीं जावन कोणाकच सूख मेळपाचें ना म्हूण तांणी वांटे करून दिल्ले. देवा दयेन ते बरी जोड करून सुखान आसात. तशें पळयत तर आतां तांकां संसारच नाशिल्लो. वकिली सोंपिल्ली. आशिल्लें तें पुतांक दिवन, ते विरक्त जावन आशिल्ले. चोरडांनी आपयल्यार तांगेर वचून येताले. पूण तांगेरच रावनाशिल्ले. काम नाशिल्ल्यान आनी घरांत कोणच नाशिल्ल्यान घोव बायलेक वेळ काडप कठीण जातालो. त्याच वेळार धुवेक आधार ना म्हूण कळळें. तशेंच येवया म्हळयार जमलें ना. नागवेणीली धाकली भयण कृष्णवेणी बाळांतपणाक घरा आयिल्ली. ती बाळांत जावपाची आशिल्ली. थंय त्या नातवालें तोंड पळयतकच ह्या नातवाक पळोवचें दिसून ते धांवत आयिल्ले.

"इतलो काळोख जामेरेन खंयं गेल्लें, नागवेणी?" तांणी विचारलें. तशेंच तिगेल्या खांद्यार न्हिदिल्ल्या नातवाक आपणें घेतलें. "दर्या वेळेर म्हूण गेल्लें. रामाक बेजार आयिल्ल्या वेळार दर्या पळयल्यार तागेलो कसलोय बेजार ना जाता. आज थंय गेल्ल्यान म्हजोय बेजार ना जालो," तिणें म्हळें. "आनीक कितले दीस अशीं समुद्राचीं पाळां मेजत दीस काडचे आसात?" बाप्पायन विचारलें. चली उलयली ना. उपरांत "बाप्पा, तूं केन्ना आयलो?" तिणें विचारलें.

"आज सांजे बसीन आयलों. आठ दिसां पयलीं येवचें केल्ले; पूण तुगेली भयण बाळांतपणाक आयिल्ली. ती बाळांत जाली तसो आयलों."

"कृष्णी बाळांत जालें? कितें जालें? ते बरें आसा न्हय?"

"बरें आसा धुवे. चलो भुरगो गुटगुटीत जाला. बापाय भशेनच रूप. कृष्णवेणीलो

घोवय आयिल्लो. ताका तर आपणेच बाळांत जाल्ले भशेन खोस जाल्ली.''

''तीं पुण्यवान् बाप्पा.''

''धुवे, पाप आनी पुण्य! देव एकेक पटी सगळयांली परिक्षा करता.'' म्हूण ते धुवेचें समाधान करपाक लागले.

घर आयलें. रामाक सकल न्हिदोवच्या वेळार ताका जाग आयली. आवयन पुताक आपोवन ''रामा, आजो आयला पळयला?'' म्हळें. रामान ''आजो! आज्या?'' म्हूण ताजेकडेन अर्द दोळयान पळयलें. तितल्यांत आज्यान नातवा खातीर यादीन हाडिल्ले मैसूरपाकाचे कुडके ताज्या सामखार दवरले. चल्यान ''आज्या, तुवें हे हाडले? आमाकय हाडलां? हांतले म्हाका खंयचे?'' म्हूण विचारलें.

''सगळे तुकाच पुता. आमाक नाका.''

''आज्या, आमाक जाय. पाप, ती समा जेव बी ना'' म्हळें. बापायन धुवेलें तोंड पळयलें. आवयन रामाक ''रामा, फट सांगता? हांव जेवना?'' म्हळें. ''थोडें थोडें जेवता, खूब खूब जेवना'' रामान सांगलें.

वासुदेवमय्यान धुवेलें बाविल्लें तोंड पळोवन, दुसरेकडेन लक्ष व्हरपाक ''तूं खा पुता'' म्हळें. चल्यान कुडको तोंडांत घालून ''आज्या, बरें लागता. तुमगेर हें करतात...? सदांच करतात...? तूं आमकां सदां हाडून दितलो? सान-आज्यान सालिग्राम तेराक म्हाका साखरेच्यो कांड्यो घेवन दिल्ल्यो. '' अशे तरेन तो खूब उलोवपाक लागलो. आवयक थंय रावपाक लज जावन ''बाप्पा, थोडें शीत करतां. आमचे पुरतेंच रांदिल्लें'' म्हणत भितर गेली. ''शीतच केल्यार पुरो, बाये'' बापायन म्हळें. फकत शीत ते केन्नाच जेवले नात; पूण धुवेगेर फकत शिता शिवाय चड कांय नासतलें म्हूण तांणी तशें म्हळळें.

नागवेणीलें रांदप सावकास जातालें. तिणें रगड्यार वांटलें, सोय कांतली, फोण्ण दिलें. हें सगळें काम करतना तिका रांदची कूड नवीच कशी दिसताली . इतले दीस तिणें मेळटा तें शिजोवन रांदिल्लें. अमकें करचें म्हूण रांदून ती जेवली नाशिल्ली. तिणें रांदून सोंपोवच्या वेळारच सुराली एक सून येवन खिडकींतल्यान ''आमा, आज हांवें न्हिदपाक येवचें नाका? तुमगेले बाप्पूय चौकेर बशिल्ले आसात'' म्हळें. ''हय बच्ची, आज नाका. ते आजूच आयल्यात. तें आसूं, तुगेल्या चोरडाक जोर अजून आसा?'' म्हूण विचारले. ''तागेलो जोर आज देंवला. देवतेक बळी घेतिल्ले पुरो अशें दिसलें जायत'' तिणें म्हळें. वचचे पयलीं आमाक परतून आपोवन ''आमा, तांणी तुमकां कोडियाळा यो म्हूण सांगल्यार, हांगाच रावपाचो हट्ट धरनाकात'' ल्हव आवाजात ती सांगून गेली.

नागवेणीक बापूय आपयतलो, आपोवपाकच आयला म्हळळें मंद बुद्द आशिल्ले बच्चीकय सुचले बगर रावलें ना. केल्ल्या उपदेशाक ''बच्ची, देवान कशें येवजिलां तशें जातलें. म्हज्या रामाल्या नशिबांत कितें बरयलां तशें'' म्हूण जाप दिली.

तितल्यांत वासुदेवमय्यान ''नागू, चल्याक न्हिदेन जांभयो येतात. पयलीं ताका तरी इल्लें वाड. आमी उपरांत सावकाश जेवया'' म्हळें. रामान ''आज्या, हांव तुजे बरोबरच जेवतां. आमा, आज्या खातीर कितें केलां? हांव रांदूं ? आज्या, म्हाका कुंवळ, तांबोळी, भाजी सगळें करपाक येता'' म्हळें.

''हय पुता, तूं शाणो. तुका मैसूरपाक करपाक कळटा?'

“तशें म्हळयार कितें?”

“आतां खाल्लो न्हय? तें.”

“तो मैसूरपाक! न्हय, तो हालूबायी,घट्ट केल्लो हालूबायी. न्हय?”

“हय, घट्ट केल्लो हालूबायी. तो तूं करता?”

“शीतांत गोड घाल्यार हालूबायी जाता.”

तितल्यांत नागवेणीन जेवपाक आपयलें. नागवेणीन बापायक आनी पुताक दोन पानां दवरून लोणचें वाडलें. पानार शीत वाडलें. वांगडा रामान तेन्ना म्हळळी हालूबायी आयली. बापायक अजाप जालें. “ह्या बोवाळांत हालूबायी?” तांणी म्हळें. नागवेणीन हांसत “बाप्पा, कृष्णीगेर तुका आवडटा तें करून घालनात? हांवें इल्लेंय तरी करून घालचें नाका? चल्या खातीर खावपाक कांयच करनासतना खूब दीस जाल्ले” म्हळें. रामान हालूबायी रुचीन खाली. वासुदेवमय्यालेंय मन धुवेन घाल्लें खावन तृप्त जालें. जिबेक हालूबायी गोडसाण लागिल्ले भशेन तांगेल्या काळजाक धुवेलो मोग लागिल्लो. हालूबायी गोडसाणेन तांगेलें तोंड बांदिल्ले भशेन धुवेले आतांचे हाल पळोवन तांचें उतरय बांदिल्लें.

वासुदेवमय्यान थांबयिल्लें उलोवप परतें सुरु करपाक म्हूण “नागू, तूंय पान वाडून घे” म्हळें. पूण तिणें तें आयकनासतना बापायक वाडपातच समाधान मानलें. त हात धुवपाक गेले नंतर नागवेणी जेवपाक बसली. वासुदेवमय्या जेवन चौकेर आयले. राम आवयकडेन उलोवपाक गेलो तेन्ना आवय आदीं करून दवरिल्ले पेजेंत मीट मिरसांग घालून जेवताली. “आमा, तुका हालूबायी?” रामान विचारलें. “हांवें खावन जाली” आवयन म्हळें. “फट” रामान म्हळें. ताका वायट दिसलें. ताणें आज्या कडेन वचून कागाळ सांगली, “आज्या, आमाक हालूबायी ना. तुवें हाडिल्ली हालूबायी दी, तिका” म्हळें.

वासुदेवमय्या रांदचे कुडींतच आयले. “हय गो, केल्लें सगळें आमकांच वाडून तुवें फकत पेज जेवप? ताकाच लागून दिसता, तूं आमचे बरोबर जेवपाक बसलें ना” म्हळें. नागू हांसली. “हांवें खाल्ले परस चड जालें, तुमी खाल्लें पळोवन. तुमचें रीण हांव केन्ना पावयतलें कोण जाणा!” तिणें म्हळें. वासुदेवमय्याक मनांत खाल्ले भशेन जालें. रामाक आपोवन “हे आमाक दी पुता. तुका दुसरे आसात. आमान खाले ना. ही घट्ट हालूबायी तिका दी” म्हणत आपणें हाडिल्ल्या मैसूर पाकाचे कुडके ताजे कडेन धाडले. रामान ते आवयक दिवपाक गेल्यार “नाका पुता, तुका फाल्यां जातले. थंय दवर” म्हळें. रामाक राग आयलो. “तूं खा. तुजें म्हाका नाका” म्हळें. त्या चल्याक समाधान जावं म्हूण तिणें ते खाले. “बरो लागता न्हय पुता?” म्हळें. “आमा, तुवें केल्ली हालूबायी चड रुचीक जाल्ली. गोड, गोड, गोड, मोव मोव लोणी!” म्हळें.

“हे वेगळेच पुता. ही हालूबायी न्हय. हे दुकानांतले हाडिल्ले आसपाक जाय.”

नागवेणी जेवन तळयार हात धुवपाक गेली. उश्ट्या आयदनां बी घांसून जालीं. तिणें चल्याक एक मांद्री पातळायली. ताजेर आज्यालो पिंदको पाचवो मुकटो घालून “रामा, रात खूब जाली पुता. न्हीद” म्हळें. रामान “आमा, आजो काणी सांगपाचो ना?” म्हूण विचारलें. “ताका काणी कळनात पुता” आवयन म्हळें. “तुका मात कळटात?” रामान विचारलें. “म्हजी काणी म्हाकाच खबर आसा” नागवेणीन हांसत म्हळें. रामान “आमा, तुगेल्या पांयार हांव न्हिदतां. जायत?” म्हूण विचारलें. आज्यान “यो पुता, म्हगेल्या पांयार

न्हीद'' म्हूण आपयलें. राम तांगेले मांडयेर न्हिदलो. चल्याक न्हीद लागल्या उपरांत आवयन ताका दुसरे कडेन न्हिदयलें. ''तुका हांगा घालतां'' म्हूण बापायक एक मांद्री हातुळन, तांडा-माडा चुडटाचें एक उशें दिलें. ''हातुळ्पाक आनी कांय ना'' तिणें हांसत सांगलें.

''यो,बस.'' बापायन धुवेक लागीं आपयले. उलोवपाक सुरु करतना ''बाये, आतांय हट्ट घेवन बसनाका'' म्हूणच सुरवात केली आनी उपदेशाचीं चार उतरां सांगपाक लागले. ''बाये, आतां हांगा तुवें रावपाकच जाय अशे कसलेंय बांदपास तुका आसात? तुगेली मांय आनी आत्त्या सोंपली. हांगा तुवें हट्टान रावन लाब कितें आसा? एकट्यानच ह्या घरांत रावपाक जायत? ऐताळांनीं म्हातारपणांत कसल्या पिशेपणाक लागून हें घर बांदलें कोण जाणा! घर झाडपी ना जावचो प्रसंग आयलो. हांगा रावन शेत करून जिणेचो भार उखलपाचें वांवट कोणाक सांगलां? तुवें तशें एक वेळ केलेंच म्हूण समज, तुगेल्या चल्याची परिस्थिती कितें जातली? फाटले दीस गेल्ले भशेन मुखाल्लेय दीस वचत? ताका इल्लें शिक्षण दिवन व्हड करचें नाका? गांवचे लोकांक पळय. हांगचे थंयचे लोक पळय. खंयची खंयची नोकरी सोदत गांवांगांवांत फिरतात. हांव जल्मा आयिल्ल्या वेळार हांगा जाल्ल्याक हांगाच मोक्ष आशिल्लो. आज तशें ना. जेवपाक, खावपाक, न्हेसपाक चड जाय अशें सगळयांक दिसता. हाजे मुखार परकाळो न्हेसून दीस वचपाचे नात'' म्हळें.

मुखार कितें उलोवणीं जातलीं हें दोगांकय खबर आशिल्ले. आपणाले वाद फकत हट्टाखातीर आसतले, ताज्यान रामाक लाब जावचो ना हें तीय जाणा जाल्ली. फुडारांत तिणें रामा खातीर जगपाक जाय आशिल्लें. ताजें व्हडें चलपाक जाय न्हय? ''कितें करचें म्हणटा?'' तिणें विचारलें.

''करचें आनी कितें? आमकां तर घरांत बेजार येता. आतां चार दिसां खातीर कृष्णवेणी आयलां. तें गेल्यार आमगेलें घर रिकामें. भुरगे सगळे वेगळे जावन सुखान आसात. तूं येवन रावल्यार, आमी जितीं आसा मेरेन, तुका आनी तुगेल्या पुतालो सांबाळ केल्ल्याचें पुण्य आमकां मेळटलें. ताज्या नशिबांत आसा तितलें तो शिकतलो. शिकिल्ले सगळेच लह्या भशेन जायनात'' म्हळें. ''जायत'' नागवेणीन म्हळें. ''पूण हें सगळें सोडून वचप?'' म्हळ्ळो एकच प्रस्न आशिल्लो.

''हें घर बीर मात्यार घेवन वचपाक जायत? शिवाय ही जमीन तुगेली काय आतां उरली ना. ती विकून खावन जाली न्हय?''

''आमकां गेणीक ना तर?''

''आसा, पूण गेण दिवची नाका? रोवपाचें शेत दुसऱ्याक दिल्यार फकत घर घेवन कितें करचें आसा?''

''कितेंय आसूं, मुलगेण ही म्हूण सानबाप्पान म्हळां. फाल्यां केन्नाय हांगा येवन रावचें दिसल्यार येवपाक जाय न्हय? शिवाय राम व्होड जावन करतलो कितें? आपणालो जल्म जाल्लो जागो पळोवची ताका इत्सा जाल्यार? हें हातचें सोडप? हें शेत पोटगेणीक दिवन घर आमीच दवरून घेवया'' म्हळें.

धुवेन सांगिल्लें अर्थ नाशिल्लें अशें तांकां दिसलें. पूण तिगेलें मन दुखचें न्हय म्हूण तांणी ''जायत'' म्हळें. उपरांत ''बाप्पा, रामाक दर्या म्हळयार जीव. तो आशिल्ल्यान तागेले इतले दीस समाधानांत गेले. फाल्यां ताका दर्या पळोवची इत्सा जाल्यार ती इत्सा पूर्ण

करपाची ही वाट बंद करची न्हय'' नागवेणीन म्हळें. ते रातीं नागवेणील्या मनांतले विचार तरंग शांत जाले. कसलोच विचार नासतना राती ती न्हिदली. दुसऱ्या दिसा सकाळीं उठटनाच वासुदेवमय्यान ''आज भायर सरया, हांगा तशीं आयदना बियदनां चड नात. आशिल्लें नारायण आपणागेर व्हरून दवरतलो. तशेंच थंयसून्च कोणाक तरी सोदून जमीन गेणीक दितलो... आनी कितें करपाचें उरला? सांग'' म्हळें.

नागवेणीक कालचे रातीं उलोवन गेल्ले सुराले सुनेली याद जाली. बच्चीक तिणें आपोवपाक धाडलें. ''बच्ची, आमगेले हांगचे रूणानुबंध सोंपले अशें दिसता. बापायन यो म्हूण सांगलां. हांवें जायत म्हळें'' बच्चीन ''आमा, तेंच बरें. सरसोती आम्मा, तुमगेले मांव हांगा आपणालें रगत आटोवन रावले म्हूण तुमकां ह्या चल्याक घेवन दगदग काडपाक जायत? वचात. ह्या चल्याल्या नशिबान तरी बरें जायत. खंयचेय कडेन रावलें म्हूण कितें?'' म्हळें. उपरांत तिणें आशेन एक उतर घालें. ''आमा, तुमगेलो जागो मुलगेणीचो खंय. मुलगेणीचो हक सोडनाकात. गेण तशी चड ना. सोडचेंच आसत जाल्यार आमगेली याद दवरात.'' वासुदेवमय्यान तिजें हें उलोवणें आयकून तिगेल्या घोवाक आपोवन हाडपाक सांगलें. ताका सगळी गजाल कळिल्ली. ताणें येवन ''रायानूं, तुमच्या अधिकारा खाला तुमगेली जमीन आमकां चालगेणीक दियात. मागशीं आमी ऐताळांचे मुंडकार आशिल्ले. आतांय तुमगेलो आधार आमकां दियात'' म्हळें. वासुदेवमय्यान एकाच उतरान ''जायत'' म्हळें. तांगेले तकलेवेलें वजें एकदम देंवलें.

त्या दिसा दनपारां जेवण सोपोवन वचपाचें म्हूण थारायलें. त्या आदीं नागवेणी चल्याक हांडीर घेवन शेजाऱ्यांक सांगपाक गेली. नरसिंवमय्यागेर वचून आयली. सुब्राय उपाध्यायागेर वचून आयली. ''जायत, देव चलयतलो. सगळो तागेलो खेळ'' अशें म्हणत उपाध्यायाले घरकान्नीन आशीर्वाद दिलो. वासुदेवमय्या ऐरोडी गेल्ले. तिणें जेवल्या उपरांत आशिल्लें थोडें सामान बांदून दवरलें. आतां विचार आशिल्लो तो काळी, कपिलेचो. सरसोती, पारोतीले चंपी, केंपीले पिळगेंतलीं घरांत वाडिल्लीं तीं गोरवां. तीं ऐरोडींत धाडचीं अशें तिका दिसलें. त्या दिसा वचपा तयारेचो बोवाळ आशिल्ल्यान त्या गोरवांक चरपाकय सोडलें नाशिल्लें. आतां जेवन जावपा वेळार जेन्ना घरांतलें सामान व्हरपाक ऐरोडींतल्यान मानाय पावले, तेन्ना नागवेणीक ''देवा, ह्या गोरवांक तांगेल्या जाग्यांतल्यान भायर धाडप!'' म्हूण वायट दिसलें. सुराली व्हडली सून बच्ची आनी सुरालो चलो काळ घरकान्नीक पावोवपाक आयिल्ल्या वेळार–नागवेणीक कितें तरी येवजलें. ''काळ, ह्या गोरवांक पयस धाडपाक मन जायना. तीं सुकल्यांत खरीं, पूण आमगेलीं अशीं दिसतात. कितेंय आसूं, तुवें आमगेलो जागो केलाच. हीं गोरवां तुका पोसपाक दितां. आमी परत आयल्यार, हांगा कांय दीस रावल्यार, एक चिपटभर दूद आमगेल्या रामाक मेळयार पुरो'' तिणें म्हळें.

काळी, कपिलेक बच्चीकडेन दितना तिका खूबच वायट दिसलें. राम मुखारच आशिल्लो. ''आमा, गोरवां तांकां!'' ताणें उद्गार काडले. ''पोसतलीं तीं तांकां पुता'' तिणें म्हळें. घर सोडून वतात म्हळळें ताका सावकासायेन कळळें. पयलीं तो खेळात आशिल्ल्यान ताका तें कळळें नाशिल्लें. उपरांत भायर सरपाचो वेळय जालो. वासुदेवमय्या ऐरोडीसाकून परते आयले. ''रामा, यो पुता, आमगेर वचया'' म्हळें. आपणांक थंयच्यान व्हरतात म्हूण कळळें तशें ताणें रडपाकच सुरवात केली. ''हांवय तुजे बरोबर येतली. हांगा कोण उरचे नात''

म्हूण नागवेणीन फुसलायलें तरी उपयोग जालो ना. चल्यान "हें घर जाय. आमी हांगाच रावया" म्हळें आयकून वासुदेवमय्या गोंदळ्ळे. कोणाच्यानय चल्याचें रडप थांबोवपाक जालें ना. निमाणें नागवेणीन "रामा, आमी दर्यार वचून सोबीत शिंपयो वेंचून हाडया?" म्हळें. ताका समाधान जालें. मध्यानचें तीन वरांचें वत तापिल्लें आसतनाय तीं पुताक घेवन दर्यार गेलीं. थंय धव्या शिडांचे मचवे ताका दाखयले. शिंपयो, शंख, समुद्राजिबो पुंजावन ताका परत घेवन आयली. उपरांत अपुरबायेच्या उतरांनी "पुता, आमकां हांगा कोण नात, आमी आज्यागेर वचया" म्हळें.

"परतून हांगा येतली मूं?" म्हूण विचारिल्ल्याक "हय पुता, जाय तेन्ना येवया" म्हूण आवयन ताका समजावन सांगचें पडलें. "खरेंच मूं?" म्हूण ताणें खातरी करून घेतली.

आपणाले मांयक काशीयात्रेक धाडटना नागवेणीक कशें दिशिल्लें तशें तिका त्या दिसा दिसपाक लागलें. तिजें काळीज सामकें भरून आयिल्लें. राम पळयत म्हूण भिरांतेन तिणें आपणाले हून आंवंडे भितल्ले भितर गिळ्ळे. बच्ची आनी तागेलो घोव पावोवपाक न्हंय मेरेन आयलीं. सुब्राय उपाध्यायाली म्हातारी बायलय आयिल्ली. नागवेणीन तिज्या सामखार पुताक दवरून "आजे, म्हज्या रामाक हात लावन आशीर्वाद दियात, देव बरें करूं म्हूण" म्हळें. म्हातारेच्या दोळयांमुखार सरसोतीली निमाणी घटका आयली. चल्याक आशीर्वाद दित तिणें "नागू, तुगेले ते देवतेन आशीर्वाद दिल्लो चलो हो. हांव कितें तिजे परस चड? तिगेल्या सत्या बळार तुगेल्या चल्याचे बरेंच जातलें" म्हळें.

सांजे वेळार न्हंयक भरती आयिल्ली. सामकी भरून ती तोंड फिरोवन परती व्हांवपाक लागिल्ली. चल्याक उदाक लागचें न्हय म्हूण वासुदेवमय्यान ताका घेतिल्लें. तांचे फाटल्यान नागवेणी येताली. कमरा मेरेन उदक जाल्लें. तरी आसतना तिका उदेकाची परवा नाशिल्ली. तिजी नदर ऐताळाल्या माळये घराचे एकेक नळे मेजताली. ते झाडा आड लिपतेरेर, शीनमय्याल्या पोरसांतलें मुखाल्लें दार दिसपाक लागलें. तेंय लिपलें. बापायगेर पाव मेरेन फाटीं पळोवन, पळोवन तिगेली मान सुजिल्लीय आसत.

नागवेणीक आनी तिगेल्या चल्याक नारायणमय्यान बरें करून भितर आपोवन व्हेलें. धाकल्या आज्याक पळोवन राम हांसलो. घरातल्या सगळयांनी तांकां माये-मोगान वागयली.

ते राती नागवेणीलें मन मात शांत नाशिल्लें. दुःखान न्हय, चिंतेनय न्हय, ताळतंत्र नाशिल्ले विचार येवन तिगेलें मन कळवळटालें. मांवागेर रंगयिल्लीं सगळीं सपनां तरंगत येवन तिजे सामखार पांखां पसरतालीं. ताज्या वांगडा फाल्यांच्यो, आपणें जल्म घेतिल्ल्या घराच्यो, मुखाल्ले जिणेच्यो, पुताल्या फुडाराच्यो अस्पश्ट सांवळयो फाटल्या स्पश्ट चित्रांचेर पांगरूण घालत ना जाताल्यो. तो दीस आनी ती रात तिणें अशें सपनेतच सारली. याद जाताली तेन्ना पुताक ती पोरसून पळयताली. घोवा भशेन सांग बिंग नासतना पूत आपणाक सोडून वतलो काय म्हळळी एक भिरांत तिका सतायताली. दुबावाक वाव आशिल्लो तर?

धुवे वांगडा बेगीनच मंगळूरा वचपाचें वासुदेवमय्यान थारायिल्लें. पूण "नागू, चार दीस तरी हांगा रावल्यार जातालें" म्हूण नारायणमय्यान म्हळें. आपणागेर मंगळूरांत बाळांतपणाक आयिल्ली धूव आसा म्हळ्ळो हुसको वासुदेवमय्याक आशिल्लो. तरी भावाले इत्सेखातीर आनी आपणाले मोगा धुवे खातीर दोन दीस रावचें अशें तांणी थारायलें. तो मेरेन रामाक वांगडी मेळिल्ले. नारायणमय्यालें धाकले धुवेकडेन तो खूब खेळ्ळो. "तुमगेल्या

घरालागीं दर्या ना?'' ताणें तिका विचारले. तांणी ताका हंगारकट्टेक आपोवन व्हेलें. थंयसून न्हंय सागराक मेळ्टा तो सोबीत देखाव दिसतालो. ''थंय वचया'' ताणें म्हळें. दर्या दिशिल्ल्यान तागेलें मन मात चाळवल्ले भशेन जालें. सांजे घरा आयिल्लोच ''आमा, हांगसून दर्या वेळेर वचपाक जायना. मदीं व्हड न्हंय आसा. पैसल्यान पळोवचो पडटा. लागीं वचपाक जायना'' अशें आवयकडेन म्हळें.

आपणाल्या पुताली इत्सा तशीच दवरची नाका अशें दिसून एक खेप कोडीक वचून येवपाचो विचार नागवेणीन केलो. दर्या दाखोवन हाडतां म्हूण तिणें चल्याक सांगलें. पुताली दर्या पळोवची इत्सा तिणें बापायक कळयली. तांणी रामाक आपोवन ''रामा, तुका एक व्हड जाळें करून दितां. मंगळूरांत सदां दर्यार वचून नुस्तें धरपाक हरकत ना'' म्हूण तागेली मस्करी केली. नागवेणीक भंय दिसलें. ''बाप्पा, तशें सांगनाका. तो पिसो. फाल्यां जाळें हाडून दी म्हूण हट्ट घेवन बसल्यार कितें करचें?'' म्हळें. ''कांय भिवंनाका नागवेणी, आमगेले चौकेर बसोवन वाटेर वचपी घोड्या टांगे, मोटार बी दाखयल्यार आपूणच दर्याक विसरतलो तो. भुरग्यांली आवड चार चार दिसांचीच आसता'' तांणी तिचें समाधान केलें.

नागवेणीक तें पटलें ना. दर्याचो मोग राम सोडटलो अशें तिका दिसलें ना. कारण तिगेले जिणेंतय दर्यान एक म्हत्वाचें स्थान मेळयिल्लें.

रात सोंपली. सकाळ जाली. नागवेणीन येवजुचे पयलींच रामान ''आमा, दर्यार वचया? हांगा खूब बेजार येता'' म्हळें. ''सांजे पळोवया, पुता'' आवयन म्हळें. घरांतल्या हेर भुरग्यां वांगडा राम दनपार मेरेन खेळ्ळो. दनपारचें जेवण जावन वेळ परततना ''आमा, हांगा गोरवां नात काय?'' म्हूण आवयक विचारलें. ''आसात'' म्हळयार ''दर्या कुशीक रानांत चरपाक तांकां व्हरनांत?'' म्हूण प्रस्न केलो. ''तें आमगेल्या गांवांत'' तिणें जाप दिली. ''थंयच वचया, आमा'' तो फाटीक लागलो. ''पुता, थंय कितें आसा? सारकें जेवपाक आसा? हांगा पळय, दूद, धंय सगलें आसा. फाल्यां आमी तुगेल्या आज्यागेर वतात. थंय गेल्यार घोड्यागाडी, मोटारी बी पळोवपाक मेळटात'' म्हळें. उपरांत मोटार म्हळयार कितें ते ताका सांगलें.

दुसरो दीस उदेलो. सक्काळीं सगळयांनी न्हावन वचपाची तयारी केली. तांगेलें सामान आदींच न्हंयचे पलतडेक पाविल्लें. घरचे सगळे जाण तांकां पावोवपाक आयलें. मोटार आयले... ''हें मोटार!'' रामान विचारलें. ''हें न्हय, न्हंय पलतडेक दिसता तें मोटार'' आवयन सांगलें.

चलो सगल्या वांगडा न्हंय पलतडेक आयलो. ताका खोस जाली. उदाक, व्हडें पळोवन तो पिसो जालो. मुखार मोटारीचो प्रवास सुरु जालो. नारायणान ''रामा, वचून यो पुता. नागवेणी, वर्साक एक पटी तरी येवन वच'' म्हळें. ''जायत सानबाप्पा'' तिणें दुकां गळयत जाप दिली. तिगेल्या मनांत दुबाव! ''परत आमकां कोडीच्या ऐताळागेरचें उदाक पिवपाक मेळत...?''

सगळे मोटारींत बसले. नारायणमय्यान भावालो निरोप घेतलो.

दीसभर मोटारीर चड उतर करत न्हंयो पार करचें कामच तांकां आशिल्लें. रामाक मात त्या प्रवासांत बेजार आयलो ना. न्हंय येता तेन्ना ताका उमेद येताली आनी तो खोशेन नाचतालो. तांगेलो प्रवास सोंपून निमाणें मंगळूर पावतना सांज जाल्ली. नागवेणीली आवय

भरिल्ल्या उमाळयान धुवेली वाट पळयताली. रामाक घेवन "आयलो भांगरा" म्हूण तिणें अपुरबायेन म्हळें. ताणें पांय धुवचे पयलींच ताका कृष्णीन न्हिदिल्ले कुडींत घेवन गेली. नागवेणीन भयणीक पळयलें. बाळशार नदर व्हेली. "रामा, तुगेल्या भावाक पळय, पुता!" म्हळें.

"म्हाका खेळपाक आमा?" रामान विचारलें. "हय" बाळश्याले आवयन जाप दिली.

नागवेणीन आपणाले भयणीक पळयनासतना कितलीं वर्सां जाल्लीं! आवयक पळयनासतनाय तीन वर्सां जाल्लीं. ही खूब वर्सांनी जाल्ली भेट अपूर्व अशीं आशिल्ली. आवयन "नागू, चल्याक भूक लागल्या आसतली. दूद दिवूं?" म्हूण विचारलें. "हय आजे, म्हाका खूब भूक लागल्या. आमाकय भूक, आज्याकय लागल्या" रामान म्हळें. ती बेगिबेगीन तांकां तानेक हाडपाक गेली. वकिलान रामाले पांय धुवन, रांदचे कुडींत व्हरून दूद दिवपाक लायलें. नागवेणी भयणील्या हांतुळणा कडच्यान हाल्ली ना. तिगेलें तोंड ती पळयताली. दोगांय मोन्याभशेन एकमेकांचें तोंड पळयत तशींच बसून रावलीं.

त्याच वेळार कृष्णीलो घोव भितर आयलो. भितर बशिल्ली कोण म्हूण कळनासतना भायर वतालो. इतल्यांत कृष्णीन "या हांगा, आका न्हय ही!" म्हळें. ताका हे दुर्देवीलें नांव मात खबर आशिल्लें. पूण ताणें तिका पळयलें नाशिल्लें. मुखार येवन ताणें "केन्ना आयलीं? सगळीं बरी आसात मूं?" म्हूण विचारले. नागवेणीक जाप कितें दिवची तेंच कळना जालें.

ताजे फाटोफाट तिगेलो अण्णा सदाशिव आयलो. घरांत पांय दवरचे पयलींच "नागवेणी!" म्हणत खोशेन हांसत आयिल्ल्या भावालो आवाज आयकून ती उबी रावली. "चलो खंय, वेणी?" म्हूण विचारिल्ल्याक "आज्याकडेन आसतलो" म्हूण तिणें म्हळें. तो रामाक सोदत गेलो आनी तागेल्या हातांत खेळा सामान दिलें. नागवेणीक व्हडल्या भावालें तोंड खूबच बदलिल्लें दिसलें. थोड्या वेळातच वैज जाल्लो भावय पावलो. सांज जा मेरेन कुटुंबांतले सगळे जाण थंय पाविल्ले. सगळयांनी आपणाली केल्ली अपुरबाय पळोवनच राम गोंदळळो. त्या मोगाचें कारणय ताका कळ्ळें ना. ती सरबराय कित्याक जाता, त्यो देणग्यो कित्याक दिल्यात, हेंय ताका समजना जालें. कळनाशिल्ल्या त्या पोराचें तशें, जाल्यार कळपी नागवेणीची गत कितें जायत? आपणें इतले दीस कितलें व्होगडायलें म्हळळें तिका ते घटकेक येवजलें.

○

22

नागवेणी रामाक घेवन कुळारा आयिल्ली ते कांय दीस घराक जात्रेचें रूप आयिल्लें. इतले दीस तें घर कृष्णवेणील्या बाळांतपणा खातीर आसा अशें दिसतालें जाल्यार, अपूर्वायेन आयिल्ले नागवेणीली सरबराय करपाक आशिल्लें घर-शें तें आतां दिसतालें. हातार ल्हवूच घेवपाक जावपी कृष्णवेणील्या कुकुल्या परस, उखलून घेवपाची पिराय हुपिल्ल्या रामाची अपुरबाय चड जाताली. आतां मेरेन वनवास भोगिल्ली नागवेणी घरांतल्या हेरांक एक आदर्श मूर्तशीं दिसताली.तिणें अणभविल्ले त्रास जरी पळयले नाशिल्ले, तरी आयकून कश्टेल्लीं तांचीं काळजां आतां काकुळटेन आपणालो सगळो मोग त्या दोगांचेर ओततालीं. आवयले सेवेंत आनी धाकले भयणीलें काम करत नागवेणी आतां वेळ काडटाली. केन्ना केन्नाय वचून येवपाक भावांलीं घरां आशिल्लीं. वांगडा शिकिल्ल्यो कांय इश्टीण्योय आशिल्यो. तांचे कडेन वचून तिगेलो वेळ वतालो. राम थोडो वेळ आवयकडेन, बरोच वेळ आजी-आज्याकडेन, ना जाल्यार सदाशिवाल्या चोरडा वांगडा खेळत वेळ काडटालो. ह्या खेळांत आसतना ताका मदीं मदीं फाटली याद जाताली. ताका नवें आंगाक घालपाक दिल्यार "वायट जायत, सालीग्राम तेरा वेळार घालपाक जाय" म्हूण आंगाचें तो काडून दवरतालो आनी नागडोच भोंवतालो. "आनिकूय आसात पुता घालपाक, तेरा वेळार दुसरें करया. तशें उकतें रावनयो" म्हळयार ताका अजाप दिसतालें. त्या एक म्हयन्याच्या जेवणा खाणान ताजी तोंडावेली कांत बदल्ली. ताजेर तेज उदेलें. आंगातल्यान भायर दिसपी हाडां ना जावन ताजें दुस्काळांतले रूप बदल्लें. तशा लुसलुसपी ओंठांची एक पटी पापी घेवन नागवेणीन "पुता, तुगेल्या तोंडांतलें इतले दीस हांवेंच काडलें न्हय?" म्हळें.

तिणेंय बरे दीस पळयले. सकाळच्यान सांजमेरेन झाडचे, वेंचचे त्रास नाशिल्ले. मानाय तें करताले. चडच म्हळयार रांदचे कडेन आवयक हातभार लायताली. आवयक धुवेलें आंग हाल्ल्यारय उमाळो भरतालो. "चार दीस थांब, नागू" म्हणटाली. ते अर्थ-अपुरबायेन नागवेणीक आदली तन्नेपणांतली सोबीतकाय जरी आयली ना तरी वय जावचे पयलींच आयिल्लें जाणटेपण ना जालें. तिगेलें तोंड भरून आयलें. तिणें पुताकडेन "पुता, आमी हांगा रावल्यार जायत न्हय?"म्हळयार तो "आमा आमकां हांगा खावपाक खूब आसा. आमी आतां हागांच रावप? आज्यागेरच? आमगेर कोण आसात? काळी, कपिलेक थंय खावपाक कोण घालतलो?" म्हूण विचारतालो. एकेक पटी ताका समुद्राची याद जाताली. "आमा, हांगा दर्या ना. थंयचे भशेन खेळपाक जागो ना. मारगार वचचें न्हय म्हणटात. घरांत खंय जागो आसा?" म्हणटालो. "आमा, मंगळूरांत समुद्र आसा म्हूण आजो फटच सांगता" म्हणटालो. एक दोन पटी पुताली समुद्राविशींची आवड पळोवन तिणें ताका कॉलेजा दोंगरार व्हरून "तें कितें सांग?" पयस आशिल्लो, पाळां दिसनाशिल्लो, सपाट पसरिल्लो समुद्र दाखयलो. "तो दर्या, पूण अर्थ नाशिल्लो दर्या! आमगेलो समुद्र कसलो

गडगडता! हो फकत म्हशे भशेन न्हिदला'' म्हण रामान म्हळें. ''न्हय पूता. होय तसोच आसा. पूण पैसल्यान सारको दिसना'' म्हूण तिणें सांगले. तो समुद्र पळोवन ताका बोटाक गोड लायिल्ले भशेन जातालें खरें, पूण तागेली इत्सा पूर्ण जायनाशिल्ली. तागेले त्रास खूबच जाल्यार ''एक दीस तुगेल्या मामाक तुका घेवन हांगच्या दर्या वेळेर वचपाक सांगतां'' म्हूण ती म्हणयली.

''केन्ना?''

''तांकां फुरसद आसपाक जाय.''

''तुवेंय येवपाक जाय.''

''जायत.''

इतल्यानच तो फाल्यांची वाट पळयत रावतालो. वकील सदाशिवाक वेळ मेळचो साध्यच नाशिल्लो. ताका लागून चल्याली इत्साय पूर्ण जावपाचो योगय नाशिल्लो. दोन म्हयने गेल्यार मे रजा येताली. तेन्ना गेल्यार जालें अशें दिसलें.

कुळारा आयिल्ली कृष्णी वचपावे तयारेक लागली. मद्रासा वटेन तिगेलें घर पयस आसा. तिगेलो घोव पयलीं आयिल्लो तो वचून परतो आपोवन व्हरपाक आयलो. नातवाक धाडून दिवपाची गडबड सुरु जाली. वचपा वेळार कृष्णीन ''आका, चार दिसां खातीर तुवें आयल्यार जाताले'' म्हळें. नागवेणीन ''येतां. पूण हांगा आयिल्ले कडेन रावपाची एक पटी रामाक बरी संवय जावंदी. तो म्हाका सोडून रावपाक लागलो जाल्यार येवपाक जातलें. म्हाका खंयूय रावलें म्हूण कितें?'' म्हळें. पूण मनांतल्या मनांत ''आपूण आतां सुखात जरी आसली, तरी मुळांत आधार नाशिल्ले भशेन आसा'' अशें तिका दिसले बगर रावलें ना. कितलेंय म्हळें तरी कुळार आपणालें जायना हें ती जाणा आशिल्ली. राम व्हड जावन आपणालें एक घर बांद मेरेन आरती घेत भोंवपी उत्सव मूर्ती भशेन आपणाली गत म्हूण ती बरे तरेन समजल्ली.

आतां तर तिजें सामखार एक व्हड प्रस्न उप्राशिल्लो. वेळ कसो काडप म्हळळोच तो प्रस्न. आदीं घरा सोंपना तितलो कामाचो दोंगर आसतालो. आतां भरून ओतपी आराम आशिल्लो. चड व्हड काम म्हळयार रामाक न्हाण घालपाचें. ताज्या वांगडा खेळपाचें. जून म्हयन्यांत ताका पांच वर्सां जातलीं. तेन्ना तो शाळेंत वचपाक लागलो जाल्यार घरांत नळे मेजपाचें सोडल्यार तिका आनी कसलेंच काम उरपाचें नाशिल्ले.

वकील आपणाल्या धंद्यांतल्यान मोकळे जरी जाल्ले, तरी वेळ वचना म्हूण पुतागेर वचून तागेल्या अशिलांक सल्लो दिताले. उरिल्ल्या वेळार चारपांच इश्टांक मेळून येताले. सांज जाली, रे जाली घर एक मठाभशेन जातालें. भक्तिरस तांगेर येवनच रावला काय अशें दिसतालें. देवा पुजा आनी जप पळयल्यार फाटीं केली नाशिल्ली पुजा ते कळंतरान आतां पावयतात काय अशें दिसतालें. इतले भक्ती-राज्यांत ते मग्न आसताले. वेळ आसूता तेन्ना रामकृष्ण परमहंसालें चरित्र आनी भगवद्गीता तांच्या हातांत आसताली. नागवेणीक अजून तसलें चड लागनाशिल्लें. भक्तिरसांतय ती तशी तल्लीन जायनाशिल्ली आनी हें वटेन जीर्णेंतय तिका तृप्तताय मेळळी नाशिल्ली. घरा आसतना देवाकुडींत दिवो लावन येताली तशी हांगाय ती दिवो लावन देवाक पांया पडटाली. पूण सरसोती भशेन काम नाशिल्ल्या वेळार पांय पसरावन जपमाळ फिरायत ''ॐ नमः शिवाय'' म्हणची मात संवय तिका

नाशिल्ली.

हे वटेन रामालें कर्तूब सांगचें न्हय! आज्या परस तो चड भगत जातालो. तांगेले कासाळ हातांत मेळ्ळयार देड वर मेरेन भजन करतालो. कासाळ खंय तरी खेळात शेणिल्ल्या वेळार मात रोखडया रोखडो भजन सोडून भायर येतालो. सामकेंच बदलिल्लें थंयचें वातावरण अजून आवय-पुताक आंगवळणाक पडलें नाशिल्लें हें तिगेले आवयकय समजतालें. "धुवे, वेळ वचना?" ती विचारताली. "या, मंजुनाथ देवळांत वचून येवया" म्हूण घरा लागीं आशिल्ल्या कद्री देवळांत तिका ती व्हरताली. राम तांच्या वांगडा आयल्यार, देवा दर्शन घेवन जालें तशें देवळा सामखार आशिल्लो दोंगर चडून थंयसून पैसलो दर्या आवय ताका दाखोवन हाडटाली. तो वेळ मेरेन नागवेणीली आवय देवळा लागीं वाट राखत बसताली. उपरांत सगळीं जाणां घरा येतालीं. वकिलाले बायलेक इश्टीणी खूब जाण आशिल्ल्यो. केन्ना केन्नाय धुवेक आनी नातवाक घेवन ती तांगेरय वचून येताली.

अशें जाय ते दीस सारल्या उपरांत नागवेणीक जिवाचो कंठाळो येवपाक लागलो आनी वेळ काडपा खातीर पुस्तकां वाचचीं अशें दिसपाक लागलें. तिणें खूब दिसा पयलीं शिकिल्लें इंग्लीश आतां नांवा पुरतेंच उरलां म्हळ्ळें तिका एक इंग्लीश काणी वाचपाक घेतिल्ल्या दिसाच कळून आयलें. तें वाचप तिणें तितल्यार सोडचें पडलें. एक दीस बापायन सदां वाचपाक घेवचें गीतेचें पुस्तक तिणें पळयलें. तें कन्नड आशिल्लें. वाचपाक अडचण दिसनाशिल्ली. बरेंच वाचलें. गीतेंतलो हांगचो एक, थंयचो एक विचार मनाक पट्टालो. पूण बापायचे भशेन सदांच गुणगूण करत आदीं साकून निमाणे मेरेन वाचत रावचें अशें मात तिका दिसलें ना. तेन्नाच तिणें मनांत "म्हाका कित्याक भक्ती विशीं तितली आसक्ती ना? पारोती, सरसोती, सत्यभामा कसलेंय काम आसलें तरी चुकनासतना देवा-चिंतन करपाक कशे तरेन वेळ काडटालीं काय? म्हाका इतलो मेकळो वेळ आसलो तरी भक्ति-भजनां कडेन लक्ष वचना" म्हणटाली. परतून कथा, कादंबरी कडेन लक्ष वतालें. ती इश्टींणीं कडसून पुस्तकां हाडून मेळटा तें वाचपाक लागली. हट्टान बसून वाचिल्ल्यान तिका विसरिल्लें इंग्लीश येवपाक लागलें. कन्नडय वाचपाक सोपें जातालें. रामान हातांतल्यान पुस्तक ओडून घे मेरेन ती कथा जावं कादंबरी वाचताली. एकेक पुस्तक वाचून "लोक अशेय आसतात काय?" म्हणटाली. आनेक वाचून "आमगेले हाल हाजे परस उणे आशिल्ले तर?" म्हणटाली. आनेक खंयची तरी काणी वाचून "हें सगळें फट" म्हणटाली. अशें आपणाक खोलायेचे गिन्यान जरी नासलें तरी अणभवाच्या बळान आपूण वाचत आशिल्ले कादंबरीचें मूल्यमापन ती करताली. वेळ वचना म्हूण चल्यान त्रास दिवपाक लागल्यार तेन्नाच वाचिल्लो मजकूर मीठ-मिरसांग लावन वेगळेच तरेन रामाक सांगताली. रामाल्या मनांत सदांच एक व्हड अपेक्षा आसताली. काणी सोंपमेरेन तातूंत खंय तरी "थंय एक व्हड दर्या आशिल्लो, तातूंत निळीं निळीं पाळां घे म्हूण येतालीं. तातूंत एक तांबडो सूर्य बुडलो" अशें सांगले बगर ताका खंयचीच कथा पूर्ण जाली अशें दिसनाशिल्लें.

दीस सोंपताले. सुखान काय बेजारान तें जांचे तांचे परिस्थितीचेर अणसरून आसतालें. नागवेणीन कुळारा येवन चार म्हयने जाल्ले. जून म्हयनो आयलो तसो आज्यान एक पटी "रामा, शाळेक वतलो मरे?" म्हूण ताका लक्तुबायेन विचारिल्लें. रामाकय घरांतच बेजार येतालो. शिवाय सानुलो इश्ट सदाशिवालो चलो चिदा आनी चली मालती हांच्या वांगडा

ताका खेळपाक नाका कशें जायत? तो तांच्या वांगडा शाळेंत वचपाक लागलो. पयल्या दिसा घरा पावलो तसो ताणें "आमा, खूब भुरगीं शाळेंत येतात. थंय सगळयांनी उलयनासतना 'गुमू' कन्न बसपाक जाय खंय. कसली अडनाडी शाळा ही!" म्हळें. पूण दुसऱ्या दिसा परतून चिदानंदान येवन "रामा, येना?" म्हूण विचारलें तशें थंय जाय ते वांगडी खेळपाक मेळटले म्हळळे आशेन आंगाक घालून तो भायर सरलो. एकाच म्हयन्या भितर दिसाक दोन पटी पोती घेवन भोंवपाक तो फाटीं फुडे पळयना जालो. ताजो बेजार ना जालो. पूण ताणें वचून परतून सांजे घरा पाव मेरेन आवयक मात वेळ काडप चडच त्रासाचें जावपाक लागलें. राम दनपारचें घरा आयल्यार येतालो. सदाशीव मामागेर जेवपाक गेल्यारय वतालो. ताजें घर शाळेकडसून लागीं आशिल्लें. अशें जाल्ल्यान नागवेणीकय ताणें घरा आयलें ना जाल्यार जातालें. पूण सांजे घरा आयलो तसो ताजे पांय धुवन "कितें केलें पुता, आज शाळेंत?" म्हूण ती विचारताली. तो कितें कितें जालें ते वर्णन करून सांगतालो.

कादंबरींतल्या कल्पना राज्यांत घुंवपाक नागवेणीक आतां वेळ मेळटालो. आंगार ओडून घेतिल्लें काम तें. तें ना जाल्यार दुसरी गत ना. वाचपाक मेळिल्ल्यान आनी विचार करपाक सवड मेळिल्ल्यान तिगेल्या मनांतली आकांक्षा चाळवली. आपणाक एक घोव आसा, ताणें आपणाक ही गत हाडली. जिणेंत जाय ते जाण सुखांत आसात. आपणाली जीण ह्या घोवान मातये भरवण केली. आंता आपूण पंचवीस वर्सां पिरायेची. हाजे मुखार आपणें धुकळपाक जाय आशिल्ले जाय ते दीस आसात. अशींच पानां परतीत दुसऱ्यांले जिणेंतल्यो कथा वाचत आपणाली जीण रिती जाली न्हय, म्हूण येवजत ते दीस काडपाक जाय. आपणालो एक चलो आसा. तो आज आज्याल्या पाख्यातळा व्हड जायत आसा. फाल्यां तो कसो जायत? आपणालें कशें जायत? अशे तरेन ताळतंत्र लागनाशिल्ल्या विचारांचो मेळ बसोवपाक ती यत्न करताली. आपणें अशेंच उरल्यार आपणा भितरलो चिंतेचो धग आपणाली जीणच लासून उडयतलो. राम व्हड जावन ताणें मातें वयर काडून जगचें वेळार आपूण मात लासून गोबर जाल्ली आसतली. तो वेळ मेरेन जगून तग धरपाक जाय. कोणच नाशिल्लो 'पोर' म्हूण ह्या चल्यान जगचो प्रसंग येवचो नाका. "हांगा हांव आसा. तूं चिंता करनाका" म्हूण ताका धैर्य दिवपाक जाय म्हळळे आशेन तरी आपणाक जगपाक जाय. पूण अशे तरेन काम नासतना, आपणालो म्हळळो आधार नासतना उणेंच म्हळयार आनिकूय पंचवीस वर्सां आपणें जगप साध्य जायत काय? म्हळळो विचार तिका वयले वयर सतायतालो.

एक दीस तिका नकळत हे अडचणेंतल्यान मेकळी जावपाची वाट तिका गावली. सदाशिवाल्या एका कद्रींतल्या इश्टागेर गायनाची कार्यावळ आशिल्ली. खंयचो तरी एक पिटील वाजोवपी त्या दिसा बसका घेवपाचो आशिल्लो. थंय सदाशिव वचपाचो आशिल्लो. तांगेल्या घरचींय वचपाचीं आशिल्लीं. बेजारान बाविल्लें तोंड करून भयणीन घरांत बसचे परस थंय आयल्यार बरें अशें दिसून सदाशिव तिका आपोवपाक आयलो. बेजार वचपाक कसलेंय नवें पळोवपाक मेळटा जाल्यार थंय वचपाक ती तयारच आशिल्ली. "संगीत! पिटील! केन्ना तरी ल्हानपणांत ताजी तालीम घेतिल्ली. आंता खंय ती याद आसा? जावं, हांव येतां. पूण रामान शाळेंतल्यान येवपाचो वेळ जाला न्हय? तोय आयल्यार जातालो"

म्हळें. “आमगेलो चिदा रामाक आपोवन घेवन येतलो. तूं म्हज्या वांगडा यो” अण्णान म्हळें. तीं सगळीं जाणां त्या दिसा थंयसून लागीं आशिल्ल्या इश्टागेर एकठांय जालीं.

सदाशिवालो इश्ट मोहनराय. तागेलें तें घर. तांचोय वकिलीचो धंदो. तांगेलो एक पयसलो वकील मित्र संगिताचीय बसका करतालो. मजेंत वेळ सारपाखातीर त्या दिसा एक संगिताची मैफल घेवची म्हूण थारायिल्लें. हांणी पावचे पयलींच संगीतकार व्हायोलिनाच्यो गुड्यो फिरावन स्वर बसयताले. अशा वेळार वकिलान वकिलागेर गेल्यार जावपाक जाय आशिल्ली सरबराय, उलोवप बी कांयच जाय नासतना संगिताची मैफलच सुरू जाली. बायलो सगळयो एके वटेन बशिल्ल्यो. नागवेणी संगीत आयकताली. पूण तिगेलें अर्द लक्ष रामाचे वाटेकडेन लागिल्लें. गावपी बरे गाणारे अशे दिसले नात. तरी तें गावप नांवा पुरतें करताले आनी चड काम हाता बोटां कडेन सोंपयताले. तांगेल्या तोंडावेल्या भावनांसपन त्या बोटांचेर नाचत नाचत तातुंतल्यान भायर येवन घरभर भरताले. रागाचेर राग भायर सरताले. हाता बोटांचो चमत्कार सगळेवटेन पसरावपी तांगेली मैफल, भावना आनी भावविस्तार करपांत गुल्ल जाल्ली. कळपी आपणाक कळटा हें दाखोवपा खातीर “हो बिलवल, हो बिहाग, दक्षिणवादी अशें आसता” म्हणत मांडयेचेर हातान वाजयतालें. “कितें वाजोवचें?” म्हूण आदीं विचारपी संगीतकार मुखार आपणाक जाय तें वाजोवपाक लागले. दोन तीन वरां मेरेन संगीत मैफल जाली.तरी ती थांबली ना. सगळे गुंग जाल्ले. रांदपाचो वेळ जालो म्हूण मदींच कांय बायलां घरा गेलींय. गेल्ले गेले. पूण उरिल्ले सात आठ जाण राती णव वरां जामेरेन घट्ट बशिल्ले; कान मात उकते दवरून. नागवेणी तांतली एक आशिल्ली. तिगेले कान रागालापांत एक जाल्ले. आपणाले जिणेंतले वेगवेगळे संदर्भ त्या रागालापांत ती बसयताली. समुद्र, न्हंय, पाळां, वारे, हुंवार, मरण, त्रास, पिडा, आशा हें सगळें ते रागालापाचें व्हडे व्हांवोवन घेवन व्हरताले. तिगेलें तोंड हालनाशिल्लें. दोळे अर्द धांपिल्ले. गायन सोंपच्या वेळार राम तिगेले मांडयेर बशिल्लो. तागेली तकली तिगेल्या हड्यार तेंकिल्ली.

ताळयांचो आवाज जालो; संगिताची बसका सोंपयली. नागवेणी सपनांतल्यान जागी जाली. तिका आपणें उठचें अशें दिसलें. पांयाचेर राम बसला म्हळळें तेन्नाच तिका ध्यानांत आयलें. “पुता, केन्ना आयलो?” म्हळें. “तेन्नाच” म्हूण रामान जाप दिली. सगळे घरा वचपाक भायर सरले. नागवेणीन वचचे पयलीं संगीतकारांक नकळत हात जोडून नमस्कार केलो. वाटेंत सदाशिवान “कशें आशिल्लें आयचें संगीत, नागवेणी?” म्हूण विचारलें. तो थंयच्यान घरा वचून परत आयिल्लो. नागवेणीन नमळायेन “म्हाका तांतलें कितें समजता, अण्णा? पूण आयकतना धादोस जालें.” म्हळें. उतरान सांगपाक जायना असली संगितांतलीं खोलाय तिज्या मनाक त्या दिसा होलमल्ली. तिज्या मनांत तितले ते भरिल्ले. तिणें ते तृप्त भावनेन समाधानाचो उस्वास सोडत “म्हान जाणकार आसात ते” म्हळें. भावान “तशेंच दिसता. पिटील वाजयतना ते ह्या गांवांत आसात अशें दिसनाशिल्लें” म्हळें.

सगळे घरा पावले. म्हातारो वकील धुवेची वाट पळयत जेवनासतना बशिल्ले. सदाशिवान “बाप्पा, तुवें येवपाक जाय आशिल्लें. हांवें आज मेरेन असलें संगीत आयकलें ना” म्हळें. “संगीत जरी जालें तरी सतत तीन-चार वरां मेरेन आयकल्यार म्हाका तकली

उसळपाक लागता'' तांणी म्हळें. पुतान हांसत ''बाप्पा, तुगेल्या भजनाक एकेक पटी तितलोच वेळ लागता. तें सोंपमेरेन आमी ओगी बसून रावनात तर?'' म्हळें. ''तुमकां भुरग्यांक कितें कळटा? भजनाचें संगीत आनी सादें संगीत एकच काय कितें?'' तांणी विचारलें.

सदाशिव थंयच जेवपाक रावलो. जेवतना ''नागवेणीन संगीत शिकल्यार तिगेलो बेजार वचत काय अशें दिसता'' म्हळें. नागवेणी कुशीकच जेवपाक बशिल्ली. तोंड वयर करून तिणें अण्णाकडेन पळयलें. तिगेल्या मनांतय तेंच घोळटालें. ''न्हय गो नागवेणी? हांगा तशे बरें शिकोवपी कोण नात. ती एक विद्या शिकल्यार तुगेलो बेजार तरी वतालो'' म्हळें. नागवेणीन ''तांगेलें संगीत आयकून आतां तरी तशेंच दिसपाक लागलां'' म्हळें. जेवण जाले नंतर सगळे उठले.

नागवेणी रामाक घेवन न्हिदचे कुडींत गेली. हातुळण घालून न्हिदपा वेळार रामान ''आमा, कोण ते व्हावोलीन वाजयताले?'' म्हूण विचारलें. पुताल्या ह्या विचित्र प्रस्नान तिका हांसो आयलो. तिणें ''कित्याक पुता, बरें नाशिल्लें? तुका कळ्ळें?बेजार आयलो तुका?'' म्हूण विचारलें. ''आमा, तुगेले मांडयेर बशिल्लों न्हय, तेन्ना म्हाका संगीत, पिटील कांयच आयकलें ना. आमगेलें घर आशिल्लें न्हय आमा, कोडींतलें घर, न्हंय, समुद्र सगळें पळयिल्ले भशेन दिसलें'' ताणे जाप दिली. ''हय पुता'' आवयन म्हळें. ''तुकाय दिसलें?'' पुतान विचारलें. ''हय पुता'' राम चड उलयलो ना. ''आमा, आमी आनी केन्ना कोडींतल्या घरा वचप?'' ताणें विचारलें. ''तूं व्होड जातलो तेन्ना पुता!'' आवन जाप दिली. ''आमा, तूं पिटील वाजोवपाक शिकता?'' ''पळोवया.''

थोडो वेळ राम मोन्याभशेन आवयलें तोंडच पळयत रावलो. आवय उलोवपाक जायनासतना ''पुता, वेळ जालो. फाल्यां शाळा आसा न्हय? न्हीद तूं'' म्हूण ताका न्हिदोवन आपूणय आड पडली. तिणें सांजे आयकल्ले दर्या संगीता आलाप सगळे ते घटकेक समुद्रा पाळा भशेन एका फाटल्यान एक तिज्या सामखार उफेवन आयले. दर्यार धोलपी व्हड्या भशेन तिगेली न्हीद समुद्राचें आल्लय गीत आयकताली. सकाळीं जाग आयिल्ल्या वेळार तिका सगळेंच चेतनामय आनी शांत दिसलें. तिणें तसलो उत्साह अणभवनासतना कितलीं युगां सोपिल्लीं कोण जाणा!

तेन्नासाकून नागवेणीक आपणें संगीत शिकल्यार जातालें अशें दिसपाक लागलें. मागशीं लग्ना आदीं शिकिल्लें कीर्तन आनी राग विसरायेर जरी गेल्ले आनी आतां तें शिकप कठीण जरी आशिल्लें तरी संगितांत वेळ बरो वतलो म्हळळे आशेन तिणें बापायकडेन तो विशय काडलो. धुवेन येवन आतां सात आठ म्हयने जाल्ले आसले तरी तिगेलें मन सदांच चिंतेंत आसता म्हळळें बापायक ध्यानांत येनासतना कशें आसत? ''बाये, देवामुखार कासाळ घेवन बसल्यार जाय तें समाधान मेळटा'' तांणी म्हळें. बापायन सांगिल्ले भशेन कांय दीस ती भजनाक बसताली. मुखार देवाली मूर्त आसताली. अंतरंगांत मात दर्याकडेन धांवपी न्हंयचे उदक व्हांवतालें. मदींच रामाल्या फुडाराचो विचार जोगुला भशेन येवन वतालो. निमाणें ''बाप्पा, मनच थीर ना जाल्यार कासाळ घेवन उपयोग कितें?'' म्हणचें पडलें.

''कासाळ वाजयतना जी शांतताय मेळना ती तंतुवाद्य वाजयतना मेळत?'' म्हळळो दुबावय तिका त्या वेळार आयले बगर रावलो ना. तरी पूण त्या दिसा संगीत मैफले वेळार

पिटील आयकून तिका एक आगळोच अणभव आयलो न्हय?

ती आतां व्हायोलीन शिकपाक लागली. तोंडान गायन करताली. ती गायन शिकपा खातीर म्हूण न्हय, तर संगिताचे राग कळपाक जाय म्हूण. मंगळुरांत नामनेक पाविल्ले सुब्राय तिका शिकयताले. ते म्हातारे. आपणाक कळटा म्हळ्ळो अहंकारय ना, शिकयता म्हळ्ळें व्हडपणय ना. आपणाक कळटा तें शिकयतां म्हळळी नमळताय तांच्यांत आशिल्ली. "तुमकां बरें दिसता तें शिका" म्हळ्ळो तांगेलो सिद्धांत आशिल्लो. तिज्या ल्हानपणांत शिकयतना "नागवेणी, साधने बगर संगीत येता?" म्हूण म्हणपी ह्या बारा वर्सांत पुराय शांत जाल्ले. म्हातारपण आनी संगीतकारा वांगडा आसपी गरीबपण हें दोनूय तांचे फाटीक लागिल्लें. अशें जाल्यान कोण जाणा, तांगेले विद्येकय म्हातारपण आयिल्ले भशेन दिसतालें. नागवेणी अभ्यास करताली. राम शाळेक गेल्ल्या वेळार, तो घरांत नासतना तिगेलें संगीत चलतालें. तो घरा यो मेरेन तिगेलीं बोटां तंतूचेर नाचत आसतालीं. एकेक पटी वाजोवप बरें जमना जाल्यार रागान "मसणांत पावतेरेरच म्हाका संगीत जमतलें" म्हणटाली. तेन्ना ती निराश जाताली. केन्नाकेन्नाय आपणेच वाजयिल्ल्या कर्कश आवाजाक आपूणच भिवन आंग काडटाली आनी आपणें वाजयिल्लें कोणेंय आयकलें ना मूं म्हूण भायर येवन पळोवन खातरी करून घेताली. गुरु आयिल्ल्या वेळा अर्दवेळ विद्या शिकपाक वतालो आनी उरिल्लो अर्दवेळ तांगेल्या घरांतली खबर आयकुपाक वतालो. तांगेलीं भुरगीं, तांगेली बायल, तांचें शिकप, तांचे तापत्रय, हें आनी तें आयकून ती कळवळटाली. सुब्राय एकेक पटी "धुवे, ह्या संसाराचें कटकट फाटी लागिल्लें पळोवन व्हायोलीन आनी धनु दोनूय रान्नींत उडोवन खंय तरी वचनशें दिसता." म्हणटाले.

ती खबर आयकल्ल्या दिसा तर तिका न्हीदच लागली ना. आपूण संसारांतली चिंता बुडोवपाक संगिताचो आधार घेवपाक पळयतां आनी गुरू संसाराच्या तापत्रयाक लागून संगीतच नाका म्हूण म्हणटात! अशें कशें? म्हळळीं नवीच चिंता तिका लागलीं. तिगेल्या मनांत निराशेचे वारे घुंवले. पूण आपणें त्या दिसा आयकल्लें संगीत मात सुब्रायाले जिणे संगीता भशेन नाशिल्लें, संसार नाका अशें तेन्ना दिसनाशिल्लें म्हूण तिका परतून समाधान जालें.

मंगळूरचो रपरप पावस चार म्हयने एकसारको पडल्या उपरांत रखरखपी वत सात-आठ म्हयने तापता. उपरांत तोच पावस तसोच गडगड करत पडटा आनी भुंयेक नाका जावचे इतलें उदक पिवोवन वता. उपरांत परतून तेंच वत येवन जमनीक लासता. ते भशेन तिगेल्या मनांतले विचार हे वटेन तेवटेन धोलत आसताले. त्या धोलपाक अणसरून तिगेलो व्हायोलिनाचो अभ्यास चलतालो. एकेक पटी सातत्यान वरां वरां मेरेन वाजयत बसताली. कांय दीस व्हायोलीन हातांतच घेवप ना. खुंटये हुमकळायिल्ल्या व्हायोलिनाच्या तंतूंक कळम यो मेरेन उदासीन आसताली! तेन्ना सुब्राय आपणाल्या पोटाचें उत्पन्न बुडत म्हळ्ळे भिरांतेन वेदांत थंयच सोडून "आमा, संगीत सोण्णाकात. देवानय शिकिल्ली विद्या ती. ते विद्येचो अनादर करचो न्हय" म्हूण सांगून तिका परतून अभ्यास करपाक लायताले.

* * * *

रामान सावकास आपणालें राज्य वाडयलें. तागेले वांगडी वाडत गेले. खेळप, नाचप चलतालें. हो वेळ मेरेन तागेल्या राज्यांत आवय तितलीच आशिल्ली. पूण आतां आजो, आजी, कांय वांगडी, भांवंडां, खेळ अशें सगळें मेळिल्ल्यान ताजे वेलो आवयलो प्रभाव बरोच उणो जालो. पूण तिजेवेलो मोग मातय उणो जालो ना. तिजेकडेन उलयतना माया आनी उमाळो आदलोच आसतालो. 'आमा' म्हणटना काळजांतल्यान विरकुवपी अमरुत आटले ना. पूण वयाप्रमाणें ताजें लक्ष हेर कडेनय वचपाक लागलें.

मंगळूर जाल्यार कितें जालें? बशिल्ले कडेन बसून, जेविल्ले कडेन जेवन सुखांत वाडटल्याक तें नवें कितें दीत? तोच भोंवतण, तेच वांगडी, त्योच इत्सा आणी तेंच काम. नागवेणीन थंय येवन स म्हयन्यांचें वर्स जालें. वर्सय सोंपलें आनी दोन तीन वर्सां जालीं. फरक इतलोच- पयलीं कोडींत आसतना घरचें काम तिजो वेळ खातालें जाल्यार आतां तो वेळ संगीत खाता. रामालो वेळ खेळपांत सोंपता.

राम कितें कमीचो? हेरां भशेन तो. भाव चिदानंद, भयण जया हांचे भशेन खेळगडी, बुदवंत आनी अभ्यास करपी. आज्यालो मोग फकत आपणाचेर व्हांवना म्हूणय तो जाणा. हेरां परस ताज्यांत भुरगेपणांतलें आगळेपण आशिल्लें तें एक - जमीन, वणत, कागद, जें कितें मेळटा ताजेर 'खरडुवपाचें.' पुताले करणेक आवयन दिल्लें हें नांव. "आमा, पळय दर्या काडटा. हें व्हडें, हें नुस्तें, ही रांपण, हो मळब, हो चंद्र" म्हूण मेळटा ताजेर तो चित्रां काडटालो आनी "कशें जालां?" म्हूण आवयक विचारतालो. आवय "मेळटा थंय खरडोवं नाका पुता, तुगेली पाटी ना? चौकीभर खरडोवन, वणत सगळी रंगोवन घाण करनाका" म्हळयार "येदो व्होड दर्या काडपाक येदी पाटी कशी पुरो जातली? ही चौकीच पुरो जायना. हाचेर वेळ काडल्यार, भाटाक जागो ना जाता; तें काडल्यार न्हंयक जागो पावना" तो म्हणटालो. "तूं धाकले पाटयेर ल्हान दर्या काड" म्हळयार "दर्या ल्हान कसो जातलो आमा?" म्हणटालो. चल्याल्या उलोवण्याचो आंवाठ मळबा मेरेन धांवता. ताजे परस पयस विचारांचे घोडे धांवतात. ते तर्कबद्ध धांवल्यार ताका जाप दिवप सोपें. पूण कश्याकशेय धांविल्ल्यान जाप दिवप जायनासतना "पिसो खंयचो!" म्हूण म्हणचें पडटालें. नागवेणी आनी कितें करतली?

ताणें खरडिल्लें पळोवन नागवेणीक एक खातरी जाली, चल्याक जल्मासाकून आशिल्लें दर्याविशींचें पिशें मातय पुसून गेलें ना म्हूण. आदीं दर्या पळयनासतना तागेलो दीस वचनाशिल्लो. उपरांत दर्या नाशिल्ली काणी ताका आवडनाशिल्ली. आतां दर्या नाशिल्लें तागेलें एकय चित्र नासतालें. हें पळोवनच एकेक पटी "हो चलो फाटल्या जल्मांत रांपण घालपी खारव्यागेर जाल्लो आसपाक जाय" म्हणत ती खो खो करून हांसताली. राम तें आयकून रागान "हांव रांपण घेवचों ना. तूं घे. म्हाका नुस्तेंय नाका, जाळेंय नाका" म्हणटालो.

केन्ना केन्नाय वासुदेवमय्या ऐरोडी वचून येताले. धूव हांगा आयले नंतर ते गांवा गेले तरी चार दिसां परस चड थंय रावनाशिल्ले. तशें ते एक पटी वतना, आपणेंय वचून गांव पळोवन आयल्यार जातालें अशें नागवेणीक दिसलें. पूण ही इत्सा मनांतच उरली. तोंडार आयली ना. आतां कोडींत वचून आपणें आनी रावपाचें उरलां- म्हळ्ळो विचार तिका येतालो. तीन वर्सां मंगळूरांत येवन राविल्ल्यान चल्यालो पोटाचो प्रस्न नाशिल्लो. गरिबीय

नाशिल्ली. तो सुखान वाडटा आसतना "कोडीचो आनी विचार कित्याक? ती हूम गळोवपाची जीण कित्याक जाय? म्हाका जाल्यार तें जातालें; पूण म्हज्या पुतान हुमेंत भिजून चिंब कित्याक जावप?" अशें दिसतालें. कोडींतल्यान भायर सरून येवपा वेळार "परतून हांगाच येवन रावचें" म्हणपी ती, पुताक मेळिल्ली सुखाची जीण नाकारची न्हय म्हूण आपणाल्या मनांतली इत्सा विसरपाचो यत्न करपाक लागली.

रामाली मंगळूरांतलीं पांच वर्सां सोंपली. तो पिरायेन धा वर्सांचो जालो. तेन्ना वकिलाल्या घरांतले ऐरोडीक येवपाक म्हूण भायर सरलें. थंय नारायणमय्याले धुवेचें लग्न आशिल्लें. घरांतलो व्हड भाव वासुदेवमय्या आशिल्ल्यान लग्नाचें यजमानपण तांचे शिवाय कोण करतलो? त्या कार्याक ते एकटेच कशे वतले? सगळयांक सोयीचें जावपाक जाय म्हूण मे म्हयन्यांत लग्न दवरलें. चोरडां, नातरां हांकां सगळयांक घेवन, मोटार एक भाड्याक घेवन वकील गांवा आयले. तांचें वांगडा नागवेणी आनी रामय आयल्यांत म्हूण वेगळें सांगपाची गरज ना.

लग्नाक तीन दीस आसात म्हळयार ते गांवांत पाविल्ले. लग्ना घरा बोवाळांत ते घुसपल्ले. लग्नाक आयिल्लो लोक वच मेरेन फुरसद नाशिल्ली. धुवेंले लग्न उत्सःहान जालें म्हूण नारायणमय्या खोशेंत आशिल्ले. घरांतले सगळेच जाण पावले म्हूण तर तांकां खूबच खोस जाल्ली.

आठ धा दीस ऐरोडींत रावचें अशें वकिलान थारायिल्लें. ह्या वेळार आपणाल्या घरदाराचेर नदर मारून येवची नागवेणीक इत्सा जाली जायत तर तें अजापाचें न्हय आशिल्लें. राम तें सगळे विसरलो बी आसतलो म्हूण तिका दिसतालें. ती गांवांत आयल्या म्हळी खबर आयकून, आपणाले भाटकान्नीक आनी धाकल्या धनयाक पळोवपाक बच्ची कोडीसाकून धांवत आयिल्ली. "आमा, तुमी घरा केन्ना येतलीं? तुमी घर सोडून गेलीं तेन्ना साकून गांव म्हळयार मसणवट अशीं दिसता" ती म्हणपाक लागली. "आमा, तुमी दिल्ली काळी गाय दुसऱ्याच वर्सा रोग लागून मेली. पूण तुमगेले क्रपिलेक दोन वासरां आसात. आमा, ह्या विताक चार शेर दूद मेळटा. आमकां कित्याक लागता दूद, तूप? तुमी येवन चार दीस रावात. कपिलेचें दूद धाकले धनी रूचीन पितले" म्हळें.

भाटकान्नीविशीं बच्चीन आपणालो आदर आनी मोग दाखयलो. ह्या पांच वर्सांत ती सामकीच सुकून काडी जाल्ली. तिणें भाटकान्नीक "आमा, तुमी आतां बरी दिसतात. धाकले धनीय सुदारल्यात. तांची वळखच मेळना" म्हळें. नागवेणीन "बच्ची, तूं इतली काडी कशी कित्याक दिसता? तुगेलो घोव कसो आसा? चोरडां कशीं आसात?" म्हूण चौकशी केली. "कितें सांगचें भाटकान्नी, एकाचेर एक संकट. जेवपाक खावपाक मेळयार मेळटा. तुमगेलो जाग्या कुडको आसा म्हूण कशेंय जगतात. तुमगेल्या सानबाप्पाक जाग्याची गेण अजून दिली ना. आमी गेणीक घेतिल्ल्या आनेक शेताक, तुमगेले मांव आसतना आमी पांच मुडी गेण दितालीं. आतांचे धनी धा मुडी गेण घेतात म्हूण तें शेत सोडलें. घरांत आठ-धा तोंडां आसात न्हय? तीन मुडी रोयल्यार पुरो जायत? दुसरे कडेन खंयतरी शेता कुडको गेणीक घेवया म्हळयार घोळपी हांव आनी ते मात. चोरडां गोरूं राखपाचें काम करतात. पूण नांगर धरपाची तांगेली पिराय न्हय" तिणें म्हळें.

तिणें सांगिल्ली खबर आयकून नागवेणीक घरातोंड पळोवपाची इत्सा जाली. दुसऱ्या

दिसाच तिणे "रामा, समुद्र पळोवपाक वचया मरे?" म्हळें. राम नाचपाकच लागलो. ताका वांगडा घेवन ती न्हंये पलतडीन गेली. घरा फुडलें शेतामळ आयलें.ऐताळान बांदिल्लें माळये घरय दिसलें. नागवेणीक तें पळोवन मांवालो मरणकाळ येवजलो. ती घरा वचचे पयलीं बच्चील्या घरा सामखारा वचून "बच्ची, आमी आयलीं" म्हूण तिका सांगपाक गेली. "तुमगेल्या घरांत वचून बसात. आतांच येतां" म्हूण तिणें जाप दिली.

नागवेणी सगळयांक घेवन घरा वचपाक लागली. तळये देगेवेल्यान वतना तिका फुलां राशीवेल्यान चलता अशें दिसलें. "पुता, रामा, हें कोणालें घर तें याद जाता?" म्हूण तिणें विचारलें. राम मोन्यानीच घरा आंगणांत गेलो. चौकेर धांवत वचून आड पडलो. भाटकान्न येतली म्हूण बच्चीन जमीन झाडून, सारोवन चक्क केल्ली.

सकाळचें मोव वत आंगणांत पडिल्लें. घर रिकामें दिसतालें. नळे, तण, झाडां, वणटी सगळयो आपण्याकडेन उलोवपाक आयल्या काय म्हूण तोंड येदें व्हड करून आपणाक पळयतात अशें नागवेणीक दिसलें. इतल्यांत एका पितळे आयदनात भरून दूद घेवन बच्ची थंय आयली. "आमा, कपिलेलें दूद हें. चोरडांक इल्लें पिवयात." म्हळें. नागवेणीन चिदानंद, जय, राम हांकां आपोवन तांबयानच तोंडांत इल्लेंइल्लें धारोशण दूद घालें "रामा, आमगेले घरचे गायचें दूद हें पुता" म्हळें. "आमा, हें आमगेलें घर? तुवें कोडी म्हणचें तें हेंच?" रामान विचारलें. "हात् चोरा, सगळें इतले बेगीन विसरलो पुता?" आवयन म्हळें.

त्याच वेळार बच्चीलो घोव कपिले वांगडा तिगेल्या दोन वासरांक घेवन भाटकान्नीक दाखोवपाक आयलो. तांकां आंगणांत हाडून "आमा, पळयात, हें तीन वर्सांचे वासरूं आनी हें ह्या वर्साचें" बच्चीन म्हळें. नागवेणीन "कपिला" म्हूण आपयलें. खंयच्यान तरी आयिल्लो तो आवाज गायच्या कानार पडलो. तोंड पळोवन तिका वळख नाशिल्ली गाय "कपिला" म्हळलें आयकून धांवतच नागवेणी म्हऱ्यांत आयली. "आमा, गाय मारतली" म्हूण रामान म्हळळें आयकून तिणें "कपिला म्हाका मारत रामा?" म्हळें.

कितें कोण जाणा, नागवेणीलें पोटात कळवळोच भरलो. चोरडां मुखार रडपाक येत अशें तिका दिसलें. "रामा, हांकां समुद्रार घेवन वचशी" म्हळें. "हांगा समुद्र आसा?" रामान विचारलें. "पुता, तूं सगळें विसरलो. काळा, ह्या चोरडांक समुद्रा वेळेर व्हर. तीं शारातली भुरगीं. दर्या पळयतलीं" तिणें म्हळें. समुद्राच्या पिश्यान सगळीं गेलीं. बच्ची आनी नागवेणी थंय एकमेका सामखार बशिल्लीं. "बच्ची, हे जमनीचो आधार कोणाकच ना करून उडयलो" म्हणत नागवेणी रडली. बच्चील्या दोळयांतय दुकां आयलीं. "आमा, उदकाचे आनी जमनीचे रुणानुबंध सगळे ब्रह्मान बरयल्यार मेळटा. ना जाल्यार ना. कशेंय जावं थंय तरी सुखान आसात न्हय... चल्याक आधाराक एक बरें ठिकाण मेळळें न्हय. हांगा उरल्यार तुमकां बग आशिल्ली? आमकां पळयात, हेच मातयेंत ल्हानाचीं व्होड जाल्लीं तरी आमगेले दीस वचनात. तुमी कशीं रावताशिल्लीं?" म्हळें.

नागवेणीन घराचें कवड काडलें. भायर-भितर येरादारी काडली. दिवो नाशिल्ले, मूर्त नाशिल्ले देवाकुडीचें कवड काडून भितर वांकून पळोवन परतून कवड धांपून घेतलें. उपरांत सुस्कारो घेवन "बच्ची, उपाध्यायागेर आतां कोण आसात?" म्हूण विचारलें. "सुब्राय उपाध्याय भायर पडले. तांगेलो चलो आनी सून कुंदापुरांत आसात. तांगेली बायल मात 'हांव हांगाच मरतली' म्हूण घर राखून घेवन आसा. तशें म्हूण शेत बी रोयनात. चलो

येवन केन्ना केन्नाय तांदुळ बी दिवन वता'' बच्चीन खबर दिली.

बच्चीक घेवन उपाध्यायाले बायलेक मेळपाक ती गेली. ती म्हातारी नागवेणीक पळोवन ''पुता, म्हजें अशें जालें! म्हाका पयली मरण येवन उपरांत तांकां आयल्यार जायनाशिल्लें?'' म्हूण सांगून रडली. नागवेणीचेर तिका समाधान करचो प्रसंग आयलो. म्हातारेन दनपारां जेवणाक येवपाचो आगरो केलो. ''कांय करचें ना, गोजु आनी शीत. पूण तूं जेवन गेल्यार म्हज्या जिवाक बरें दिसतलें. तुगेल्या चल्याक म्हाका पळोवपाक जाय'' तिणें आगरोच केलो. आपणा बरोबर आयिल्ल्या सगळयांक घेवन जेवपाक वचप बरें जावचें ना अशें दिसून दुसऱ्या दिसा येतां म्हूण सांगून ती परतली.

वाटेर येतना दोंगुल्ल आनी उंडी झाडांचें भाट लागलें. ''हीं फळां आतां वेंचून व्हरनात कित्याक?'' म्हूण नागवेणीन विचारलें. ''जालें, आतां चिमणेल पेटयतात. उंडेलाचें प्रस्थ उणें जालें. देवा मुखार मात इल्लें जळयतात'' बच्चीन जाप दिली. नागवेणीक मय्यागेरची खबर आयकनशी दिसली. पूण आपूण जावन तांगेर वचची इत्सा जाली ना. विचारचें म्हूण ''त्या घरांत कोण आसात?'' म्हूण विचारलें. ''तागेर? आतां जाय ते दीस व्हडलो धनीच सगळी वैवाट पळयता. धाकल्या भावाक लागून तांकां धंद्यांत बरोच मार बसलो खंय.'' बच्चीन जाप दिली. ''तांगेलो धाकलो भाव ओरटा, घरदार सगळें विकून गांवच सोडून गेलो. गेल्ले वर्स काय पेलेवर्स तुमगेले घरकार थंय येवन चार दीस रावन सगळें चोक्क करून गेले. आमगेर येवन हांकां भिसडावनय गेले खंय'' तिणें मुखार सांगलें.

नागवेणी परतून घरा सोपणार येवन बसली. ''हीं भुरगीं आयल्यार बेगीन ऐरोडी वचपाक जातालें. फाल्यां हांवें एकटेनच आयल्यार जालें'' तिणें म्हळें. पूण समुद्रावेळ वतान ताप मेरेन तें कपी सैन्य परतें आयलें ना.

○

23

चोरडांक घेवन घरा पावमेरेन वत परतल्लें. वतांत हुलपल्ल्यान सगळयांचीं तोंडां पिकिल्ल्या तेंडल्या भशेन जाल्लीं. पुरो जाल्ल्यान कोणच उलयनासतना जड पावलां घालत घरा पावलीं. जेवण जातकच भुरगीं परत खेळपाक धांवलीं. नागवेणीलें मन सगळें घरा भोंवतणे घुंवतालें. रातीचें जेवण जालें. तिका दुसरो विचारच नाशिल्लो. "आमगेर घरांत बशिल्ल्या वेळार ते कांय क्षण कितले गोड आशिल्ले! थंय कितली थंडाय आशिल्ली! पोटाची एकच एक चिंता नाशिल्ली जाल्यार तो जागो सर्गा परस उणो न्हय!" म्हूण तिका दिसलें. चड रात जाल्ली पळोवन "रामा, हातुळण घालां. येवन न्हिदल्यार जायना?" म्हणत चौकेर बोवाळ घालत आशिल्ल्या पुताक भितर आपोवन न्हिदपाक सांगलें. ताजे कुशीकच आपूणय न्हिदली. थोड्या वेळान दिवो न्हिवलो. पूण हातुळणारय नागवेणीक आपणाल्या घराची याद जाताली.

रामान ल्हवूच "आमा, फाल्यांय कोडीक वचया? आमगेलें घर कितलें बरें आसा न्हय?" म्हळें.

"हात् फटिंगा, तुगेलें कसलें घर? ताजी कसलीच याद उरली ना तुका!" आवयन म्हळें.

"हय आमा, पयले घटकेक याद जरी जाली ना तरी दर्यार गेल्लों न्हय, थंयच्यान एकेक याद जावपाक लागली. घर पळयिल्ली याद जाली ना तरी तें सगळें म्हजेंच अशें दिसपाक लागलें."

"पुता, दर्यार वचून कितें केलें? न्हाले?"

"ना आमा, अण्णान न्हावया म्हळें. म्हाका भिरांत दिसली. हांव दर्या वेळेर चित्र काडत बसलों. न्हय, न्हय, तूं म्हणटा न्हय, तशें खरडीत बसलों. म्हाका खरडुवचें काम, समुद्राक पुसपाचें काम..."

"पुता, हांवें तुजे भशेन जाय ते पटी पिशें लागिल्ले भशेन तशें खरडिल्लें. समुद्रा पाळा कडेन हट्ट धरिल्लो. पूण ताज्या मुखार आमकां तग आसा?"

"तें सोड आमा, फाल्यां परतून समुद्राक वचया? थंय एकदोन दीस रावल्यार जायना? तें आमगेलें घर म्हणटा न्हय?"

"पळोवया पुता" म्हूण जाप आयली.

दुसऱ्या दिसा सकाळ जातनाच सानबाप्पाकडेन सांगून थोडे फोव आनी धंय बांदून घेवन नागवेणी चल्या वांगडा भायर सरली. हेर भुरगेय भायर सरले. पूण सानबाप्पान गवजी घाली! "तुमकां सगळयांक तळयाकडेन, दर्याकडेन राखतलो कोण? तिका तिगेलें घर तें" म्हळें. वेल्या उपचाराक "येवं ते" म्हूण जरी नागवेणीन म्हळें तरी तिका शांततायच जाय आशिल्ली. निमाणें सानबाप्पाल्या म्हणण्या प्रमाण न्हंयचे पलतडेन आशिल्ले कोडीक आवय

आनी पूतच पावलें. घरा पावमेरेन, पावल्या उपरांतय दोगांलींय तोंडां बंद आशिल्लीं.

तांकां मेळपाक बच्ची आयली. रामाक पिवपाक दूद आयलें. हे पटी दूद तापोवपाक लाकडा बडयो बच्चीन हाडून दिल्यो. दूद तापोवपाक दवल्ले नंतर चल्यान "आमा, समुद्रार" म्हळें. नागवेणी पुताक घेवन भायर सरली. "म्हाकाय काम ना. भाटकान्नी, हांवय येतां" म्हणत बच्ची आयली. आदीं उपाध्यायाले बायलेक आयल्यांत म्हूण सांगून दर्या वेळेर पावलीं. थंयसून चलत न्हंयचे तोंडा मेरेन गेलीं. संगम पळयलो. मागशी एक दीस जीव दिवपाक तिणें उदकांत उडी घेतिल्लो जागो आयलो. नागवेणीक फाटली याद आयली. पूण थंय आंतां उदका जाग्यार रेंवेचो उबार जागो तयार जाल्लो. त्या जाग्यार ती रावली. "आमा, हांगा कित्याक रावल्यांत तुमी? उदाक आनिकूय मुखार आसा" म्हूण बच्चीन म्हळें. नागवेणी हांसली. आपणाली काणी सांगली. राम तिगेलें तोंड पळयतच रावलो. आपणाक घेवन अपुरबाय केल्ल्या जाणटेल्यांचीं तोंडां मना भितर झळकून गेल्ले भशेन ताका भास जालो. थंयच्यान तीं परतलीं. ऐतु पुजारीलें नाल्लां भाट आयलें. "हें आतां कोणाक आसा?" नागवेणीन विचारलें. "कोणाक जाण कोण?" बच्चीन म्हळें. नागवेणीन "रामा, तुगेल्या आज्यान हें विकत घेतिल्लें. तुगेल्या बापायन हें विकून उडयलें" म्हळें. तिणें तो वेळमेरेन बापायली खबर ताजे कडेन काडलीच नाशिल्ली. आतां उलयिल्लें आयकून "ते खंय आसात आमा?" म्हूण ताणें विचारलें. "कित्याक विचारता पुता?" तिणें बेजारान म्हळें.

सगळीं घरा फाटल्या उंडीझाडा भाटांत आयलीं. थंय सांवळे थंडायेक कपिला येवन बशिल्ली. नागवेणीक पळोवन ती उठपाक लागिल्ली पळोवन सगळीं थंय वचून बसलीं. तिजो हात ल्हेंवत गाय उबी रावली. तेन्ना तिगेली आंगा चामडी थरथरपाक लागली. गायली ती माया पळोवन नागवेणी "बच्ची, ह्या मोन्या प्राण्याकय कसली माया, कसली याद पळय!" म्हळें. उंडी झाडांक चंवर फुलिल्ल्यान घमघम सुटिल्लो. सुकिल्लीं फुलां पडिल्ल्यान जमनीर फुलांचेच चादर घाल्ले भशेन दिसतालें. ते सोबीत भुंयेर बच्ची आनी नागवेणी तांचे तांचे जिणेविशीं कितलें उलयलीं कोण जाणा! जमनीर हात दवरून राम सगळें आयकतालो. "आमा, हांगाच रावचें अशें तुका दिसता?" म्हूण ताणें रावपाक जायनासतना विचारलें. नागवेणीन चल्यालें तोंड पळयलें. "कित्याक विचारता पुता? आमकां जाय तशीं रावपाक_जाता? ब्रह्मान बरयलां थंय रावचें पडटा" म्हळें. राम कितें जाप दितलो? "आमा, मंगळूरा परस हें घर सोबीत न्हय?" म्हळें.

"हय" जाप आयली.

आपणाल्या घरांतलीं उलयतालीं ताजी बच्चीक याद जाली. "आमा, मस्करी अशें समजूं नाकात. म्हगेलो मांव आसतना म्हणटालो 'राम ऐताळान खूब दुडू केल्लो. तांणी खंय तरी तो पुरून दवरला आसतलो. पुतावेल्या रागान ते सांगनासतना मेले' म्हूण. खरें आमा तें? खरें जाल्यार ह्या घरांत खंय तरी पयसो आसतलो. तुमगेलें नशीब आसल्यार मेळटलो" तिणें म्हळें.

आपणालो मांव वणटीं भितर पैसो दवरतालो म्हूण नागवेणीनय आयकल्लें. पूण हेर गजालीं मात तिका नवी आशिल्ली. तसले सपनांतले गांठीचेर तिका विस्वास नाशिल्लो. "बच्ची, तांणी हातांत दिवन गेल्ले म्हज्या नशिबान राखून दवरलें ना. आतां म्हज्या पांयाक

दुडवा हांडो लागत अशें तुका दिसता?'' तिणें म्हळें.

''तुमकां न्हय जालें तरी तांच्या ह्या नातवाक मेळनयो अशें आसा?''

''तुका पिशें बच्ची. तांणी तांणी केल्लें कर्म तांकां तांकां. कोणेंतरी मेळयिल्ले आमगेल्या हाताक लागचे म्हूण आसा?'' म्हणत तिणें तो विशय तितल्यारच सोंपयलो.

तसोच वेळ गेलो. घरा येवन कपिलेचें दूद पिवन तांणी तान न्हिवोवन घेतली. आजेलें जेवण केन्ना जातलें कोण जाणा म्हळ्ळया दुबावान धंयाफोव खावन घेतले. ते सोंपता म्हणसर ''नागवेणी'' म्हळ्ळो उलो आयकलो. उपाध्यायाली बायल तांकां जेवपाक आपोवपाक आयिल्ली. ''हय, तुका विसर पडलो काय पळोवया म्हूण आपोवपाक आयली'' तिणें म्हळें.

उपाध्यायाले बायलेन तांकां घरा आपोवन त्या दिसा केल्ले सरबरायेक शीम-मेर आसा? पापड, वडी, शीत, सार, गोज्जु अशे तरेचे आपणें म्हयनोभर खावपाचे सगळे एकच खेपेक तांकां वाडून ती मोकळी जाल्ली. ''कित्याक आजे इतलें सगळें केलें?'' म्हळयार ''तूं कितें सदां हांगा पावता? ह्या चल्यान केन्ना पावचें आसा हांगा?'' म्हळें. ''कित्याक, फाल्यां घरांत रावची इत्सा जावन राम गांवांत येवचो ना म्हूण आसा!''

''जालें! शार सोण्ण हांगा येतात? गांवांत आशिल्लेच गांव सोण्ण शारांत वतना? हांगा कितें चवळे पाल्याची शाक खावपाची इत्सा जावन येवपाचें? आमगेलो गांव पळयलो आतां? चल्याक मुंज बांदली रे बांदली बेंगळूरा धांवप! आतां कोडींतले गांव म्हळयार बायलांचे गांव, म्हजे सारक्या दोळे दिसनाशिल्ल्या म्हाताऱ्या कोताऱ्यांनी आनी दुसरी वाटच नाशिल्ल्यांनीं रावपाचे गांव. हांवें म्हगेल्या किट्टाक सांगलें- ''पुरो तुगेलें हॉटेल. आशिल्लें चार मुडीचें शेत रोवन जगया'' म्हळयार हॉटेल चलोवन व्हडपण मिरयतलो म्हणत कुंदापुरांतच आसा. एकेक पटी दिसता, हांव मेल्यार ताका खबर कळोवपीय कोण नासतलो'' म्हूण तिणें म्हळें. ''तुमी कित्याक थंय वचून रावनात?'' नागवेणीन विचारलें. ''त्या भश्टकारांत! कोणय येवन वचपी हॉटेलांत अनवाळपण बी नाशिल्ले कडेन हांवें रावप? मरच्या वेळार राम राम म्हणत हांगाच मरतां. आमचे सारक्या फाटल्या लोकांक तें सगळें जमना.''

उलोवणीं खूब वेळ चलत रावलीं. वेळ जालो म्हूण नागवेणी चल्याक घेवन भायर सरली. रामान ''आमा, आनेक पटी दर्यार वचून येवया'' म्हळें. तशीच ती ताका घेवन समुद्रार गेली. सांज जाली. मळबार भांगर उदेलें. ''पुता, रात जाली, वचया'' तिणें म्हळें. रामान फाटीं वयर उदेल्ल्या चंद्राक पळोवन ''आमा, आज भंय ना. वयर चंद्र आसा'' म्हळें.

''हय पुता. ताणें आनी वयर यो मेरेन रावल्यार न्हंयेंत भरतेचें उदाक भरतलें. पलतडेन वचप त्रासांचें जातलें.''

''तशें जाल्यार आमा, आमी हांगाच न्हिदया घरांत. गिमाचे दीस, हातुळपाक कांय नाका. आजेगेरचें जेवण गळयामेरेन जालां'' रामान म्हळें. सूर्य बुडमेरेन तो थंयचो हाल्लो ना. आवयकय तें पळोवपाचें आशिल्लें. वेळ जाल्ल्यान तांणी घरची वाट धरली. चाऱ्या उजवाडांत ते भुंयेचेर चमकत येवपाक तांकां खोस जाताली. समुद्रा वाऱ्या आल्लायेक ताडमाडा चुडटा 'सपसप' पदां म्हणटालीं. आवारो आयलो. घरा तळेंय आयलें. देणपो

आयलो. घरा आंगणा भोंवतणचे माड वाऱ्यांत न्हावन "हांगा रावनासतना आनी खंय वतात?" म्हूण विचारताले. राम "आमा, हांगाच रावया आमी. फाल्यां आनेक पटी दर्यार वचून वचया" म्हूण हट्टच घेवन बसलो. नागवेणीन बच्चीक आपयलें. "तूं न्हिदपाक यो" म्हळें. "थंय एक उतर सांगून धाडल्यार जातालें" तिणें म्हळळें आयकून बच्चीन आपणाल्या घोवाक ऐरोडी धांवडावन "आज राती येनात" म्हूण कळयलें.

रातीं बच्चीन दिल्लो एक मिणमिणी दिवो चोकेर घेवन ती बसली. जेवचींनात म्हूण कळळें तशें बच्चीन धांवत घरा वचून आसा तें दूद हाडलें. शिवाय "मंगळूरांत ताडाबोंडे मेळटात तर?" म्हणत मस्करी करून आपणें घरा हाडिल्ली ताडाबोंड्यांची कातली तांच्या मुखार दवरली. "बरी लागता." रामान खायत धेंकर काडलो.

मिणमिणपी दिव्या मुखार दोगीजाणां खूब वेळ बशिल्लीं. उपरांत दोळे झेमतकच थंयच न्हिदलीं. रामय न्हिदलो. दर्याच्या ताला वांगडा माडा चुडटाचें आनी ताडा-माडा पेंडींचें संगीत रातभर घुंवतालें.

रातीं सपनां विरयत मेळिल्ले शांत न्हिदेन तांकां वयले वयर अळंग भोंवडायलें. सुक्र उदेतनाच बच्ची उठून घरा गेली. आदल्या दिसा सांजे सुकोवन काडिल्लें भात कांडून तिका तांदुळ करपाचे आशिल्ले. ती घरा येवन पदां म्हणत आसुडपाक लागली. नागवेणीक आनी रामाक त्या दिसा शारांतले भशेन कडक न्हीद लागिल्ली. पयलीं गांवांत सक्काळ फुडें जाग येताली. तशी येनासतना सात वरां जातकर तांकां जाग आयली. उठपा वेळार हवेंत फरक पडिल्लो. थंड वारो व्हांवतालो. उदेंन्तेक सूर्य उदेल्लो. पूण अस्तमतेचें मळब काळया कुपां-कांबळेन धांपिल्लें. राम भायर आयलो तेन्ना वयर उदेल्लो रामबाण पळोवन ताणें "आमा, आमा, थंय पळय!" म्हणत व्हडान आवयक आपयलें. "आमा, आतां दर्यार वचया. थंय आतां भोव बरें दिसता आसतलें" म्हूण परत परत सांगपाक लागलो. "पावस आयल्यार पुता?" आवयन दुबाव उक्तो केलो. "आनिकूय मजा जातली" चल्यान म्हळें. ताका घेवन ती आवाऱ्यार गेली. समुद्र मळबा रंग घेवन काजळेवन न्हिदिल्लो. वयर कुपांचें व्हडलें छप्पर. मदीं सात रंगांचें वांकिल्लें तोरण. खंयच्या तरी देवाल्या लग्नाक वरुणदेवान माटोव घाला काय असो तो देखाव दिसतालो.

दोगांनीय समुद्रार येवन तो देखाव दोळयांक समाधान जामेरेन पळयलो. एक दोन थेंबे पडून वत वयर सरता तशे मळब काळो रंग सोडून तांबशा रंगाचें जालें आनी उपरांत गोबरा रंगाचें जालें. निमाणें सुर्याचो धग सगळो आपणाकडेन घेवन तें मळब आंग हुलपावपाक लागलें. नागवेणीन "कोण जाणा, आज सकाळचेंय वत खर लागता! वचया पुता" म्हळें.

घरा येतना वाटेर रामान "आमा, आमी हें घर सोडून मंगळुरा कित्याक गेलीं आमा?" म्हूण विचारलें. "पुता, आमकां हांगा कोण आसात? सगळें सोंपलें" म्हूण फाटली याद उस्तून काडली. मांय, आत्या, मांव सगळयांची खबर सांगली. 'तांची' खबर मात सांगली ना. रामान आपूण जावन "बापूय परतून घरा येवपाचो ना? आतां खंय आसा?" म्हूण विचारलें. तिणें बेजारान "पुता, ते सारके आसल्यार आमी कोणागेरय रावचें पडतालें?" म्हळें.

उपरांत ती चल्याक घेवन ऐरोडी गेली. नागवेणीक आपणाल्या घरा वो दर्यावेळेर परत

येवपाक जालें ना. नारायणमय्यान "पळोवन आयली धुवे घर? तो गेल्ले वर्सा आयिल्लो खंय. ओरटालें बदीक सगळें ताका लागूनच वाटेक लागलें अशें लोक म्हणटात. फट कितलें, खरें कितलें कोण जाणा! पूण दोगूय एकठांय आसात. मैसूर, बेंगळूर जावन आतां विजयनगरांत हॉटेल घालां खंय" म्हळें.

"ओरटालीं बायल भुरगीं?"

"तिका तुजीच गत जाल्या. घोवान हांगा कितेंच शिल्लक दवरलें ना, थंय बी आपोवन व्हेलें ना. अशें जावन ती बापायगेर वचून पडल्या खंय. थंय तांकांच पोटाक ना. तातूंत ही आपण्याल्या तीग भुरग्यांक घेवन गेल्ल्यान तांचीय तीच अवस्था जाल्या. हॅं हॅं! शीनमय्यालो एक ओरटा, राम ऐताळालो एक लच्चा! चिखलांत रेड्यांची जोडी जमिल्ले भशेन!" म्हळें. "धुवे, तुका मंगळूर कशें दिसता? आमगेल्या भिकाङ्ग्या गांवापरस खंयचोय गांव जायत असो दिसना? हांगची किटकिट, झगडीं, लोकांली भानगड... तें आनी सांगपाचें न्हय"

"कितें कोण जाणा, थंय आसल्यार एकय दीस म्हाका घरची याद चुकना. सानबाप्पा, हांव एकटेंच आशिल्लें जाल्यार कोडींतच रावन अशें दिसता. पूण राम हांगा रावन करतलो कितें? ताज्यान रोवप, कापणी बी करून दीस काडपाक जायत?"

"रामालें म्हणटा तूं; आतां आमगेल्या गांवांत दादले प्राणीच दिसनात. रोवपा वेळार सगळे बेंगळूरसून जावं, हावेरीसाकून जावं, वो खंयच्या खंयच्या तरी गांवांतसून जावं येतात. मुखार नण्णी काडून गेल्यार परतून कापणे वेळार येतात. तेन्ना गेल्ले त्याउपरांत आठ म्हयने मेरेन नाच जातात. कसलेंय लग्न, मुंज बी आसल्यारच येतात."

उलोवप सोंपलें. एक दोन दिसांन वकिलालें कुटुंब कोडियाळा वचपाक भायर सरलें. नागवेणी आनी रामय त्या गांवांत पावले. रजा सोंपली. राम परतून शाळेंत वचपाक लागलो. नागवेणीक आपणाल्या तंतुवाद्याची याद जाली. आपणालो राग, द्वेश सगळो ताजे गुड्डीचेर आनी धनुचेर ती काडपाक लागली. आतां तिगेले गुरू काय घरांत येनाशिल्ले. तीव आपणाक कळटा तशी वाजयताली. पिटील सुब्रायाक आतां हात थरथरतालो. पिराय सामकीच जाल्ली. बोटां थीर रावनात. अशें जाल्ल्यान तीच केन्ना केन्नाय तांगेर वचून तांच्या सामखार वाजोवन येताली. "धुवे, म्हाका बेजार ना. म्हजे कडसून विद्या शिकिल्ल्यांनी लग्न जालें तशें वाद्य माळयार चडयलें, गांधील्या चरख्याभशेन! तूं एकटीच हे पिरायेंतय वाजयत आसा. तांणी सगळ्यांनी सोडलें म्हूण म्हाका बेजार ना. तुगेल्या हातान वाजयिल्लें जे आयकतले ते म्हजें नांव घेतले बगर रावचे नात. तूं एकटें जालें तरी साधना करता न्हय, तितलीच पुरो" म्हळें.

नागवेणीक खूब बरें दिसले. तिगेल्या घरांतच तिगेलें व्हायोलीन आयकुपी कोण नाशिल्ले. राम केन्नाय "तूं बरी वाजयता" म्हूण जरी म्हणटालो तरी तें फकत मायेचें उतर अशें दिशिल्ल्यान तिका ताजें व्हड दिसनाशिल्लें. पूण आतां गुरूच तोखणाय करता तें पळोवन खंयचे शिश्येक खोस जावची ना?

आनेक पटी गेल्ल्या वेळार "धुवे, चार चौगां मुखार एक पटी तरी तुवें वाजोवपाक जाय" म्हूण गुरून म्हळें, "जायत, हांवें वाजोवन फाट थापटून घेवपाक जाय! पयशे मेळोवपाक जाय!" हांसत नागवेणीन उपहासान म्हळें. "तशें न्हय धुवे; आमगेल्या लोकांक आमगेल्या मनशाचें मोल कळना. भायल्यान कसलो बोद्दो प्राणी आयलो तरी तांकां तो देवा

भशेन दिसता'' म्हळें.

सुब्रायाल्या आगऱ्याक फळ मेळ्ळें तें हीं उलोवणीं जाल्ल्या दोन वर्सां उपरांत. एक दीस मोहनरायाले व्हायोलीन वाजोवपी इश्ट राघवेंद्रराय परतून मंगळूरा पावले. तांकां घरांत आपोवन भयणीली विद्या दाखोवची असो विचार सदाशिवान केलो. ताजे खातीर इश्टांक आपोवन मैफल घेवपाचें थारावन पांच स जाणांक आमंत्रण दिलें. ते बसकेक कोण कोण आयिल्ले तें नागवेणीकय खबर नाशिल्लें. तिजे लागीं म्हातारे सुब्राय बसून पाना विडो खायत ताल धरताले. आनेक बाजून राम तंबोऱ्याक श्रुती लायतालो. नागवेणी तकली सकल घालून एका फाटल्यान एक राग वाजयताली. दोन वरां वाजोवन जाले तशें मुखाल्ल्यान कोणें तरी ''तोडी'' म्हळें. नागवेणीन तोडी राग वाजोवपाक सुरवात केली. तशें पळयत तर तोडी राग नागवेणीलें काळीज हालोवपी राग आशिल्लो. तिणें तो वाजयलो. सुब्रायानी मुखार बसून तकली हालयली. तांणी आतां मेरेन आयकलो ना तसलो भावनाद ल्हारां जावन भायर सरतालो. मदीं नागवेणीन मान वयर केली. तोडी राग वाजोवपाक कोणें सांगले तें तिका पळयन दिसलें आसत. अर्द उगडिल्ल्या दोळ्यांनी तिणें पळोवपाचो यत्न केलो. एकदम तिगेलो हात थांबलो. त्या दिसा आपणांत गायन शिकपाची इत्सा आनी गायनाविशीं मोग निर्माण केल्ले ते वकीलच मुखार बशिल्ले. आपणाक तोडी राग वाजोवपाक तांणीच सांगिल्लें म्हूण तिका खातरी जाली.

''कित्याक थांबयलें धुवे?'' सुब्रायान म्हळें.

''तांच्या सामखार म्हजो खेळ चलत?'' तिणें म्हळें.

सुब्रायान मुखाल्ली सभा पळयली. त्या नव्या मनशाली तांचे कडेन वळख नाशिल्ली.

नागवेणीन ''म्हजें पुरो. म्हाका तांचें आयकुपाक जाय'' म्हळें.

''कित्याक थांबयलें?'' म्हूण अण्णान विचारिल्ल्याक ''आमी तांगेलें आयकुचें नाका?'' तिणें म्हळें

आतां इश्टांनी सगळ्यानी तांकां मुखार काडले. तेन्ना राघवेंद्रराय नागवेणीलेंच व्हायोलीन घेवन बशिल्ले कडेनच तोडी रागाचो विस्तार करपाक लागले. आपणाले भैरवीचे खोलाये मेरेन वचून तांणी बसका रंगयली. सुब्रायांनी ''वाहवा'' म्हळें. बसका सोंपल्या उपरांत नागवेणील्या अण्णान वकिलाक आपोवन ''हो तुमगेलो प्रसाद. त्या दिसा तुमी वाजयिल्लें आयकून तिणें ही विद्या शिकपाक परतून सुरवात केली'' म्हळें. थंय आशिल्ल्या सुब्रायांक दाखोवन ''हे तिजे गुरू'' म्हळें. सुब्रायान तांच्या तोंडांतल्यान कितें येता तें पळोवया म्हूण वाट पळयली. तांणी ''तुमी पांच वर्सांत एक अटंग्य रानच माडयलां. तुमी आनी तुमचे गुरू दोगांय म्हान आसात'' म्हळें. नागवेणीक संकोच जालो. उपरांत वकील राघवेंद्रराय सुब्रायाकडेन खूब वेळ उलयले. ''संगीत शिकपाक त्रास ना. अभ्यासान विद्या आत्मसात जाता. पूण वाजयतल्याच्या काळजांतले भाव ताजे ताकाच वाजोवपाक जातात. तिगेल्या हातांतल्यान वाजयतना भायर सरपी दर एका नादांत अंतरंगांतली कसली तरी व्यथा उकती जायत आसा. तिका शिकयिल्ले तुमी इतले व्हड आसतले अशें म्हाका दिसलें नाशिल्लें. तुमगेल्या हाताचें आयकुपाक म्हाका केन्ना मेळटलें?'' म्हूण राघवेंद्ररायान विचारलें. ''म्हजो हात वचून तीन वर्सां जालीं.. हातांत व्हायोलीन धरल्यारच हाताक थरथरो भरता. म्हाकाय वर्सां जाल्यांत... सुण्याक जातात तशीं सत्तर.'' सुब्रायान म्हळें. ''अशें कितें उलयतात

तुमी?'' तांणी वायट दिसून विचारलें ''पोटा खातीर विद्येचें साधन जे करतात तांची गत अशीच आसता'' सुब्रायान म्हळें. तांच्या उतरांत दारिद्र्याचें दुःख आशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा राघवेंद्रराय सुब्रायागेरय गेले. थंय नागवेणीक आपोवन तिजे कडसून संगीत वाजोवन घेतलें. उपरांत ''हांव आनी केन्ना पावन सांगपाक जायना. तरी आज आयकल्लें मधुर संगीत हांव विसरचों ना'' तांणी म्हळें. भायर वतना आपणे हाडिल्ली एक शाल नागवेणील्या म्हाताऱ्या गुरुक पांगुल्ली, तांच्या पांयाक हात लावन नमस्कार केलो. सुब्रायांच्या दोळयांत दुकां आयलीं. ''म्हज्या पुतांनी अशे तरेन म्हजो आदर केलो ना, तुमी कित्याक करचो? तेंय येद्या व्होड विद्वानान...!'' म्हळें.

हीं सगळीं उतरां औपचारीक जरी आसलीं तरी तांणी निरोप घेतना ते एकाच कुटुंबांतले अशे जाल्ले. सदांच मत्सरान भरिल्ल्या त्या संगिताच्या राज्यांतय उपाट मोग भरिल्ल्या कुटुंबांतले भशेन तांणी एकमेकांचो निरोप घेतलो.

संगिताची ही जाण सदचीच जाल्ले भशेन नागवेणीले जिणेंत ती एकरूप जाली. तेन्ना साकून मोहनरायाल्या आनी अण्णाल्या चोरडांक तिणें गुरु जावचें पडलें. मनाक मारल्यार रामय तंतुवाद्य धरतालो. पूण तागेल्या शिकपांत भुरगेपणांतली चंचलताय आसताली.

दर एकांत एकेक तरेची सोबीतकाय आसता. संगितांतय तसली आसा. जिणेंतल्या दुःखांत तें एके तरेचे समाधान दिता खरें, पूण जिणेंतलें दुखणें सगळें संगीतच ना करपाक शकत? कोण जाणा? ह्या प्रस्नाची जाप नागवेणीक आजून मेळ्ळी ना.

तिगेले जिणेंत दोन नवे घाय पडले. त्या एका वर्सांत तिजो गुरु भायर पडलो. तांगेल्या मरणा वेळार नागवेणी धुवे भशेन दोळयांत दुकां काडत उबी आशिल्ली. तांगेले इत्से प्रमाण राघवेंद्ररायान त्या दिसा दिल्ली शाल तांगेल्या आंगार घाल्ली. समाजान मान्यताय दिना जाल्ल्यान कश्टेल्ली तांगेली जीण नागवेणील्या दोळयां सामखार येताली. ''तेंच ना जाल्यार संगीत कित्याक जाय?'' म्हूण ती व्हायोलीन बाजून उडोवन मोकळी जाली. पूण वेळ वचना म्हूण परत तें हातांत घेवचें पडलें.

दुसऱ्या वर्सा तिगेल्या पांया सकलची जमीन हालोवपी आनीक एक घडणूक घडली. एक दीस वासुदेवमय्या सांजे पुजा करपाक बशिल्ले, हड्ड्यांत दुखता म्हूण न्हिदले. खबर कळून चले धांवत आयले. तांतलो एकटो वैज. ताणें बापायक तपासून इंजेक्शन दिलें. ''अण्णा, वखद दिवपांत आतां अर्थ ना. तांचो वेळ आयलासो दिसता'' म्हळें. ताणें म्हळळें तेंच खरें जालें. रातीच ते भायर पडले. नागवेणीन आवयलें दुःख उणें करपाक आपणालें मन घट्ट केलें.

हें जाल्ल्या एक म्हयन्यान नागवेणी आपणाले आवय वांगडा अण्णागेर रावपाक आयली. रामाक नवो जागो वेगळो असो जरी दिसलो ना, तरी नागवेणीक अण्णालें घर आपणालें अशें दिसलें ना. तें कुळार अशेंय दिसलें ना. एक दोन म्हयने बरे तरेन जरी गेले, तरी उपरांत घरचे यजमान्नेक हीं आयिल्लीं नवीं मनशां जड दिसपाक लागलीं. अशें जाल्ल्यान तिगेलो बेजार तिगेल्या उतरांत झळकुपाक लागलो. नागवेणीक जावं, तिगेले आवयक जावं हें लक्षांत गेलें ना अशें न्हय.

आतां कशेंय सहज अशें म्हणपाक जाता- आज्याल्या मरणा उपरांत आवय वांगडा राम स-सात वर्सां थंय रावलो, चिंता नासतना शिकून मॅट्रीक जालो म्हूण. पूण त्या दीर्घ काळांत,

तागेली आवय त्या घरांत कितल्या संकोचान, तोंड उगडनासतना आपणालें दुःख गिळत रावली हें कोणच नकळत. तिणें सदां वाजोवपाच्या व्हायोलिनाची वळख आशिल्ल्यांक तें कळटालें काय कोण जाणा! कारण तोंडा-उतरां भायर घालनाशिल्लें तिजें सगळें दुःख संगीत भायर घालत आसतालें.

सदाशिवाक तशें जितल्या तितलें उत्पन्न आशिल्लें. बापायन करून दवरिल्ल्या उत्पन्ना शिवाय म्हयन्याक दोनशेंक रुपय येताले जायत. ते तागेल्या पांच चोरडां आशिल्ल्या संसाराक पुरो जायत? व्हडलो चलो चिदानंद आंता इंटराक शिकता. दुसरो ह्या वर्सा स्कूल फायनल जातलो. धाकले सगळे शाळा शिकपी पिरायेचे. फाल्यां आनिकूय भुरगीं जावपाचीं नात अशें म्हणपाक जायना. अशें आसतनाय रामाल्या शिक्षणाचो भार, आवय आनी भैणीलो भार ताणें फकत कर्तव्य म्हूण आंगार घेतिल्लो; आपणाली तशीं तांक आसा म्हूण न्हय. तागेली बायल ललिता केन्ना केन्नाय घोवाक "चार दीस तांणी तुमगेल्या भावागेर वचून रावल्यार जायना? ऐरोडींत रावल्यार जायना? आमी कितलो म्हूण हो भार घेवप?" म्हणटाली.

रामान स्कूल फायनल परिक्षेक बसपाक बारा रुपया मागिल्ल्या दिसा ललिताक जाल्लें असमाधान सांगचें न्हय. तिणें "हय, आमीच कितले दिवप? ह्या वर्सा चिदानंदानय परिक्षेक बसपाक जाय" म्हळें. दुर्दैव म्हळ्ळे भशेन हें उलोवप तेवटेन कुडींत आशिल्ले नागवेणील्या कानार पडलें. त्याच दिसा सांजे धाकल्या अण्णाकडेन वचून "अण्णा, चल्याक परिक्षे खातीर भरपाक बारा रुपय दिवशी?" म्हूण नागवेणीन विचारलें. रुपय मेळ्ळे. त्या दिसा पुरतें समाधान जालें. पूण व्हड भावाक हें कळ्ळें तेन्ना ताका वायट दिसलें. आपणाक विचारी नासतना धाकल्या भावाकडेन मागिल्लें ताका समा दिसलें ना. हाका कारण आपूण म्हळें ललितान लिपोवन दवरिल्ल्यान व्हड अण्णाक "भयणीन म्हजो मान व्होगडायलो' म्हळ्ळी खंत मात उरली. नागवेणीक हें कळ्ळे उपरांतय ललिता आड कागाळ करपाक जालीना. "तिगेल्या अन्नार जगपी आमी. तिज्यांत आनी घोवा मदीं झगडें लावपाचें काम करप?" म्हूण ती ओगी रावली.

रामाली परिक्षा सोंपली तशें "एक पटी घर पळोवन येवया" म्हळ्ळी तिका इत्सा जाली. ताजे परस, चार दिसां खातीर तरी भावजेलें अन्न चुकोवया अशें दिसलें. आवयकडेन तिणें तशें म्हळें. तांकां सगळ्यांक गांवांत धाडपाची अण्णान वेवस्था केली.

ऐरोडींतल्या घरांत आवय, धूव आनी राम पावले. थंय कसलें सुख? नारायणमय्यालो संसार ल्हान तर? तरी चार दिसां खातीर घरा आयिल्ल्यांक कोणेंच दुखयलें ना. पाविल्ल्या दुसऱ्याच दिसा नागवेणी "आमा, आमगेर तूं केन्ना पावलां? म्हज्या लग्नाक आयल्या उपरांत तूं परत पाविल्ली? कोडीक एक पटी वचून येवया" म्हूण आवयकडेन हट्ट घेवन बसली. राम आतां व्हड जाला. आज सोळा वर्सांचो तरनाटो तो. मागशीं तो आयिल्लो कांय वर्सां पैली, धा वर्साचो आसतना. आतां भोंवपाची उमेद चड न्हय? वाचून वाचून बेजार येवन चार गांव फिरया म्हळ्ळी इत्सा जावपाक हो योग मेळिल्लो. पूण शारांतच म्हातारपण आयिल्ले नागवेणीले आवयक कोडींत वचपाचें नाका अशें दिसतालें. तरी धुवेलें घर दोळे भरून पळयनासतना कशें रावप म्हळ्ळया विचारान ती येवपाक तयार जाली. न्हंयत दिंबे मेरेनच उदक आसलें तरी तिजे खातीर सगळयांनी व्हड्यांत बसून पलतड

गांठली. थंयसून शेतामळा वेल्यान घरची वाट धरली. वाटेवेल्यानच 'बच्ची!' म्हूण नागवेणीन आपयलें. तें बच्चीक आयकले ना. तिगेलीं चोरडां भायर येवन "कोण तरी आयल्यात. ऐताळागेर गेल्यात" म्हणपाक लागली. "कुलूप लायिल्ल्या ऐताळागेर आनी खंयचो म्हारू येतलो? आयल्यार भाटकान्नीनच येवपाक जाय" म्हूण दुबावान बच्ची बेगीन धांवतच आयली. बच्ची नागवेणीले पिरायेची. नागवेणीलो आंगलोट देंवलो नाशिल्लो; मन मात चेपून गेल्लें. पूण आतां मेरेन धा भुरग्यांची आवय जाल्ली बच्ची मात वीस वर्सां चड पिराय जाल्ले भशेन दिसताली. तिणें आपणाले धुवेले धुवेक हांडीर हाडिल्लें. बच्चीलो आवाज, उलोवणें, चलप पळयल्यार ती संसार यात्रेचें निमाणें सपण चडिल्ले भशेन दिसताली.

"कशीं आसा तूं बच्ची?" म्हूण नागवेणीन विचारलें.

"कशी म्हूण सांगूं भाटकान्नी, घटका मेजत आसां. तांकां शीकपण सोडना. घरभर भुरगीं! आसल्यार एक वेळ, ना अर्द वेळ जेवन जीव धरून आसात. आमा, हे धाकले मालक! कितले बरें दिसतात, आमा!"

"कोण बाये ही?" नागवेणीले आवयन धुवेक विचारलें. "आमगेली मुंडकान्न आमा. आमगेलो मुलगेणी जागो तिगेल्या घोवाक चालगेणीक दिला. आमगेलो जागो नांवापुरतो तरी आमगेलो उरपाक जाय म्हूण मुलगेणी हक राखून दवरपाक तशें केल्लें. आमा, हांगाच रादिल्लें जाल्यार बरें जाता आशिल्लें, कोणा कोणाले पेजेर जगचे परस" नागवेणीन म्हळें.

"हय नागू, पुतागेर रावप म्हाकाय नाका दिसता. पाप, आमकां लागून दुसऱ्यांक कित्याक त्रास म्हूण हांवय घटका मेजत आसतां. सुनेल्या दानाचेर जगप म्हळयार मनाक बरें दिसना. तें जाणा जावन तांणीच चोरडांक वेगळीं बिराडां करून दिल्लीं. पूण तांगेलेंच वचप जाल्ल्यान नाका तेंच जालें" आवयन म्हळें.

इतल्यांत नागवेणीक सुब्राय उपाध्यायाले बायलेली याद जाली "बच्ची, त्या घरांत उपाध्यायागेरची आजी आसा?" म्हूण विचारलें.

"आमा, जीव सास्वत आसता? तांगेली पिराय बरीच जाल्ली न्हय! गेल्या पावसांत ती भायर पडली. तिणें मरच्या वेळार त्या घरांत एक मूसय नाशिल्लो. कोणें तरी वाटेवेल्यान वतल्यान मडें पळोवन कुंदापुरा खबर धाडून चल्याक आपोवचें पडलें" म्हळें.

"आमा, ते आजेन गेल्ले पटी हांव आयिल्ल्या वेळार तशेंच म्हळळें. 'आपणाल्या मरणावेळार घरांतल्या खांब्याचोच आधार!' म्हूण. तशेंच जालें पळय" नागवेणीन म्हळें.

"आमा, हांव भोंवन येवं? दर्या वेळेर वचून येवं?" रामान नागवेणीक विचारलें. "जायत पुता" आवयन म्हळें. राम एकटोच आपणालें आंगाचें काडत, दोंगुल्ले वेल्यान, आवारो माडयत दर्या वेळेर पावलो. हांगा थंय भोंवलो. उदका देगेर रांगेंत बशिल्ले देवकावळे मेजले. कुल्ल्यांक धांवडावन धांवडावन बिणांत पावयले. उपरांत पडुकेरे गांवांतले रांपण ओडत आशिल्ले पैसल्यान पळोवन, तें लागीं वचून पळोवचें दिशिल्ल्यान थंय गेलो. रांपणकार नुस्त्या रास ओडटात तें अजापान पळयत रावलो. नुस्त्या राशींत आयिल्ल्या जिवदाण्यांक भायर उडयिल्ल्यान तीं रेंवेंत वळवळटालीं तें पळोवन ताका वायट दिसलें. गिदां येवन तांकां व्हरतात तें ताणें पळयलें. पागपी, कावळे, गीद हें सगळे धरिल्ल्या नुस्त्यांचो चडांत चड वांटो उखलपाक यल करतात तें पळयतना, त्या खेळांत तागेलें मन घुसपलें. दर्याच्या वेल्यान दिसपी चैतन्या परस, त्या दर्याचेर जगपी प्राण्यांचो जिणेसंग्राम

तागेल्या मनांत चड भरलो. हें पळयतनाच वत मात्यार आयलें. आंग आनी तोंड तापून तांबडें जालें. पोटांत उजो पडिल्लो. तो घरा वटेन बेगिबेगीन चमकुपाक लागलो. माडयता तितली सोंपनाशिल्ली वाट पळोवन "आवयस! ही वाट चमकता तितली लांब जायत वता!" म्हूण हांसलो.

ताणें घरा येवन "आमा, कोण सायबा ऐरोडींत आतां चमकत वतलो? एकदोन आडसरां ना जाल्यार ताडाबोंडे हाडल्यार दनपारचें खावन हांगा रावपाक जातालें" म्हूण स्वास घेत म्हळें आयकून "पुता, तळयार वचून न्हावन यो पळोवया" म्हूण आवयन सांगलें. ताका अजाप जालें. ताजे फाटोफाट रांदपाक लागता तें सामान आनी एकदोन मांद्र्यो ऐरोडी साकून एक मानाय घेवन आयिल्लो. कारण दोन दीस तरी हे पटी कोडींत रावपाक जाय म्हळी नागवेणीली इत्सा नारायणमय्यान मानिल्ली. पूण तांणी एक शिटकावणी मात दिल्ली. "तुगेल्या म्हारुतीन दर्यार वो संगमा कडेन न्हावपाक मात वचनासतना रावपाक जाय" म्हूण तांणी सांगिल्लें. "समुद्रा उदकांत वचना' म्हूण ताणेंय उतंर दिल्लें. दर्या पळोवन ताणें उदाक तोंडांत घेवन "थू" केल्लें. दर्यातल्यान येवन वेळेर पसरपी पाळां माड्डोवपाची ताका इत्सा जाताली. पूण गाज करपी व्हड पाळां पळोवन ताजें काळीज थरथरतालें. "आवय सायबा!" म्हूण भिवन तो फाटीं सरतालो. सानपणांतलो तागेलो दर्याविलो भरवंसो जुवानपणांत पूर्णतायेन ना जाल्लो.

ताणें न्हावन यो पर्यंत आवय आनी आजी तागेली वाट पळयत रावली. बच्चीन दिल्लीं केळी पानां मांडून "रामाक येवपाक कितलो वेळ पळय धुवे!" म्हूण आवयन म्हळें. तांगेल्या पोटाक सडसडीत भूक लागिल्ली. न्हावन तो जेवपाक बसतना "कांय ना, फकत पेज जेवप" आवयन म्हळें. "मेळटा तें पुण्य!" रामान म्हळें. पूण त्या दिसाचें मीठ-मिरसांगे बरोबरचें जेवण भुकेक लागून अमरुता भशेन ताका लागलें. फाटले जिणेचें सूख नागवेणीन तेन्ना अणभवलें. तिणें मिरसांग चाबून जेवत "आमा, कितले तरी दीस हांवें अशे काडले नात? देवान कित्याक म्हूण म्हाका दुसऱ्याल्या अन्नाक लायलें!" म्हळें. "धुवे, तुगेल्या भावाल्या अन्नाक दुसऱ्यालें अन्न म्हणचें न्हय. ती एक दुसरी जायत. आपणाल्या चोरडांक पळयता तशी ती रामाक कशी पळयत?" म्हूण आवयन तिचें समाधान केलें.

तीन दीस मेरेन तांचें हें वनभोजन चलतालें. "कँपांतलें लायफ" म्हणत राम हांसत गांवांतल्या समुद्रार, न्हंयेर, संगमार बी भोंवन येतालो. भूक लागल्यार काजू-झाडां आसात. ताका फोगां आसात. जाय ज्जाल्यार काजू-बी आवयक भाजून दी म्हणटालो. जेवणाक ताक, आंळवां गोज्जु, कणगां भजीं, पणसा बिकणां भाजी, हें सगळें आसतालें. बच्चील्या उपकारान भाजी मेळटाली. तीन दिसांचें तें शांत वातावरण नागवेणीले आवयक मानवलें. "नागू, चल्याचें न्हय जाल्यार हांगाच रावपाक जातालें. हांगा कितेंय केल्यार विचारपी नात. कोणाली कटकट ना. मेळता तें जेवपाक जाता. आसा तें न्हेसपाक जाता. पेजेक तोंडा लावपाक कितेंय उरल्यार जाले."

"आमगेले कपिलेलें वियेवपी पाडूक आसा. बच्ची मागल्यार दितली. ताका-उदकान इल्लें अन्न खावचें आनी कोणाले उपकार नासतना रावचें अशें म्हाका दिसता. पूण रामाक कितें दिसता कोण जाणा? ताका कितें शिकपाचें आसा कोणा खबर."

दुसऱ्या दिसा सांजे पुता बरोबर नागवेणीय समुद्रा वेळेर गेली. रांदून आवयक सांगून ती

गेल्ली. तांणी वेळेर पावच्या वेळार निवळ आशिल्ल्या मळबावेलो सूर्य येदो व्हड तांबडो गुळो जावन इल्लो इल्लो ना जायत वतालो. तांबडीं सूर्या किरणां तांगेल्या तोंडार नाचतालीं. तांणी बशिल्ले वेळे सामखारा पांच स मोगेर जाळे घेवन वताले. हे नवे कोण तरी आयल्यात म्हूण हांगेलीं तोंडां पळयत, कोण ते कळना जावन ते मुखार गेले आनी ना जाले. सांजेचो झिळमिळटो उजवाडय ना जालो.

पाळां बरोबर 'फस्स' करून फुटिल्लो फेणेर मुखार येवन ना जातना उज्या किटे भशेन झगझगता तें पळोवन रामाक अजाप जालें. तो धांवत उदका कडेन गेलो. ताणें जमीन पांयान खरडिली. उदकांतल्या गंधकाक लागून तें चकचकतालें. "आमा, कितलें चंद! हाजे पयलीं असलें पळयिल्लें ॰का याद जायना." म्हळें. "समुद्रा उदाक गिमान आटचे वेळार अशें जाता. न्हंयेतय जाता. आतां वेळ जालो, घरा वचया पुता?"

"जायत" तांणी घराची वाट धरली. आवयन पुता कडेन "पुता, तुका आमगेलो हो गांव कसो दिसता आतां?" म्हूण विचारलें.

"हें कित्याक विचारलें तुवें?" चल्यान प्रस्न केलो.

"हांगा रावल्यार जातालें अशें म्हाका दिसता... दुसरे कडेन वचून कित्याक पडचें अशें..." तिणें म्हळें.

"आमा, हो गांव कितलो बरो आसा! आमगेलेंच घर आसा. हांगा रावल्यारय जाता. पूण हांगाच रावल्यार पोटाचें कशे चलप?"

"तशें जाल्यार मामागेरच रावचें पडलें ना?"

"तें नाका आमा. म्हाका सांगप बरें दिसना. पूण थंय आमी आसल्यार तांकां कितेंशेंच जाता. कित्याक दुसऱ्यांक भार जावन थंय रावप? हांव इंटरा खातीर दुसरे कडेन खंय तरी वतां. मंगळूरांत शिकपाचें ना अशें हांवें थारायलां."

"खंय वतलो तर?"

"मंगळूरा ना अशें आतां थारायला. दुसरे कडेन खंय तें येवजना. एक पटी कसोय बी. ए. जालों जाल्यार मुखार कितेंय करन. आतांच कामाक लागल्यार पंद्रा रुपयांचीय आशा ना."

"पुता, तूं एकटो खंयय रावलो जायत तर आमी हांगा कशेंय दीस काडपाक शकतलीं. तुगेले आजेल्या नांवान थोडे पयशे आज्यान दवरल्यात. पेज जेवन जालें तरी आमी दोगांय हांगा रावतात. कोणालेय उतर घेनासतना तरी रावपाक जाता न्हय? आदले भशेन सानबाप्पा गरजे वेळार पावतलो. म्हाका तुगेलीच काळजी पुता. तुका बी. ए. करपाक कितलो पयसो लागतलो कोण जाणा! तो कोण दितलो? सदाशिव म्हूण कितलो करत?"

"पळोवया तें मागीर. आमा, कितेंय तरी जातलें." अशे तरेन गोंमनाशिल्ल्या फुडाराचेर भार दवरून, जुवानपणांतली आकांक्षा फुलोवपी चल्या वांगडा ती घरा आयली. जेवणा वेळार वाटेर उलयिल्ल्याचेर परतून उलोवणीं जालीं.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं सगळयांक ऐरोडी वचचें पडलें. तो वेळ मेरेन घरसून हाडिल्लें सगळें सोंपिल्लें. हांगाच कायम बिराड करचें आसत तर सानबाप्पाक विचारून करपाक जाय न्हय? ते खातीर ऐरोडीक वचपाक जाय. वतना नागवेणीन बच्चीक आपोवन "बच्ची, आमी हांगा रावपाक येवचो संभव आसा. आयल्यार गायचें पाडूक एक दिवशीं न्हय?"

म्हूण विचारलें. "आमा, तुमगेलेंच तुमकां ना म्हळयार देवाक कितें दिसत!" तिणें म्हळें.

घरा गेल्ल्या दोन तीन दिसांत नागवेणीले आवयन देराकडेन आपणालो विचार मांडलो. नारायणमय्याक अजाप जालें. "तुमीय तुमगेले धुवेल्या पिशेपणाक हय म्हणप?" तांणी विचारलें. तिणें "तशें न्हय, तुमकां कळना तें... आतां मरपाचे दीस लागीं आयल्यात; दुसऱ्यालें अन्न खावचें कित्याक, अशें दिसता" म्हळें. मुखारचे बरीच उलोवणीं जालीं. सगळया घरांनी आसता तसल्या कांय घडणुकांक लागून तिजें आनी नागवेणीचें मन दुखलां आसतलें म्हळें नारायणमय्याक मनांत दिसलें. तांणी "होने, म्हाका कशेंय जाल्यार जाता. अण्णान म्हयन्याक शंभर रुपया तुमकां मेळपाची वेवस्था केल्ल्यान विचार करपाचें कारण ना. शंभर रुपय म्हळयार कोडी गांवांत मस्त जाले. तशे उणे पडल्यार हांव आसाच. पूण रामालें मुखाल्लें कोण पळयतलो? बापायलें तोंड पळयलो नाशिल्लो पोर तो आतां आवयकडसूनय पैस रावपाक तयार जायत?" म्हळें.

"रामाली चिंता तूं करनाका तो कसोय रावतलो. ताकाय मंगळूर पुरो जालां. म्हज्या अण्णान स वर्सां पोंसलें. आनिकूय तो कितें करतलो?"

बारा वर्सां पयलीं ऐताळागेरसून ऐरोडीक पाविल्लीं आयदनां-बियदनां परतून कोडीक पावलीं. नारायणमय्याल्या मानायांनीं ऐताळालें घर निवळ करून, वणटींक चुनो लावन, गोठो सारको करून दिलो. सगळें काम सोंपिल्ल्या दुसऱ्या दिसाच नागवेणी आवयक घेवन उत्साहान कोडीक आयली. येतना रामान "आमा, हांगा आयली तेन्ना साकून तुगेलें व्हायोलीन माळयार चडलां. गांवांत आयली तेन्ना साकून तुवें ते धरलेंच ना" म्हळें. नागवेणी हांसली. "ना पुता, तें ना जाल्यार म्हजो वेळ वचत सो दिसना" तिणें म्हळें. रामान व्हायोलीन खाक्याक मारून येतना हाडिल्लें.

कोडीक आयिल्ल्या दोन दिसांतच "हेंच म्हजें घर. हांगसून हांव गेल्लीच नाशिल्ली" अशें तरेन दिसपा इतली नागवेणी थंय एकरूप जाली. नारायणमय्या लंगडत येवन "तुमगेलें बिराड कशें चल्लां?" म्हूण विचारून गेल्ले. तांचे कडेन "हांगा रावप बरें आसा, पूण शेत रोवपाची भानगड मात आमकां नाका सायबा" म्हणत नागवेणी हांसली. "कोण? आमा शेत करतली!" रामान हांसत म्हळें. "आरे पिश्या, तुगेले आवयन तुका हांडीर घेवनय शेत केल्लें आसा. तूं कितें जाणा?" नारायणमय्यान तागेली मस्करी केली.

गिमांतली रजा सोंपत आयली. राम चिंतेंत पडलो. "मुखार कितें?" म्हळ्ळो प्रस्न ताका हुमकळायत आशिल्लो. आवाऱ्यार आशिल्ल्या झाडा पानां परस चड ताजें मन हालतालें. विचारान मन तितलें अस्वस्थ जाल्लें. "मंगळूर न्हय जाल्यार आनी खंय रावप? मद्रासा? थंय तशें बरें आसा. पूण कितलो खर्च येतलो कोण जाणा!" म्हळ्ळी भिरांत आशिल्ली. तितल्यांत नारायणमय्याक सदाशिवालें कागद आयलें. "आवयक कशें आसा? भयण कशी आसा? मुखार राम कितें करतलो म्हणटा?" म्हूण त्या पत्रांत आशिल्लें. नारायणमय्यान जाप धाडली. पूण सविस्तर कांय बरयलें ना.

"नागवेणी आतां कोडींतच रावता खंय. सद्या राम हांगाच आसा. मुखार कितें करतलो कळना. पळयल्यार कोणय मंगळुरा येत अशें दिसना" म्हळ्ळें निमाणचें वाचून सदाशिवाक मनाक लागलें. तसो निर्णय घेतलो हाजो अर्थ म्हगेले आवयकय आमगेलें घर नाका जालें असो जाता, अशें त्या पत्रावेल्यान ताका दिसलें. ताणें आपणाले बायले कडेन "तुगेल्या

तोंडाळपणान आवयकय राग आयलो'' म्हळें. पूण जाल्लें जावन गेल्लें. धाकल्या भावाकडेन विचारून सदाशिवान सानबाप्पाक जाप धाडली. ''सानबाप्पा, तांकां आमचेर राग आयला दिसता. तरी हरकत ना. पूण रामाक तरी हांगा धाडपाक सांगचें. शिक्षण अर्दार उडयल्यार मुखार त्रास जातलो. फकत एस्. एस्. एल्. सी. क विचारचे दीस आतां नात. ताणें बी. ए. तरी केल्यार बरें. हांव आनी भाव मेळन ताका म्हयन्याक धा रुपया जाल्यार दितात. मुखार तांगेली इत्सा'' म्हूण तातूंत बरयिल्लें.

त्या कागदांतलो मजकूर रामाकय कळ्ळो. ताणें ''आमा, तांगेले धा रुपय बी कांय घेवचे नाका अशें दिसता'' म्हळें. आजेन ''पुता, कोणालेंय घेनासतना शिकप जातलें? पांच धा मेळ्ळयार तितलेच त्रास उणे जाले'' म्हळें. पैशे सोडची परिस्थिती ना, घेवची इत्साय ना अशें जाल्ल्यान निर्णय कसलोच घेतलो ना.

जून म्हयनो लागलो तसो राम घरांतल्यान भायर सरलो. आदल्या दिसा ''आमा, म्हजो विचार तूं करनाका. हांव कसोय शिक्षण घेतां. वचून खंयचीय सारकी वेवस्था जा मेरेन तुका कागद बरयना. तूं मात कसलीच चिंता करनाका'' ताणें आवयक सांगलें. ते रातीं पुताक लागीं बसोवन आपणालें लग्न जाल्लें तेन्ना साकून त्या दिसा मेरेन घडिल्ली सगळी खबर ताका सांगून नागवेणी रडली. ''पुता, तांणी म्हजो हात सोडलो. म्हजी म्हाका काळजी ना. हांव जगली तुजे खातीर. तुवें हात सोडल्यार मात...'' म्हूण दोळयात दुकां काडलीं. फाल्यां पूत पयस वता म्हळयार आवयक वायट दिसनासतना कशें रावत!

कोडींतल्या संगमांत आवय जीव दिवपाक गेल्ली खबर आयकून तागेल्या आंगार कांटे फुल्ले. आपणाल्या याद जायनाशिल्ल्या बापायली गजाल आयकून ताजो राग चडलो. आवयन भोगिल्ले हाल आयकून ताजें काळीज कलकल्लें. ताका आपणाले परिस्थितीची जाण येवन आवय सामखार सान भुरग्यावरी तो रडलो. ''आमा, म्हजेर भरवंसो दवर. हांव तसो करचो ना'' म्हूण ताणें आवयलो हात घेवन ताजेर आपणालो हात दवरलो. नागवेणीन पुताक वेंग मारली. दुसऱ्या दिसा उजवाडटना राम आजेक पांया पडून, आवयक सांगून, ''बच्ची, वचून येतां'' म्हूण वळख जावन चार दीसच जाल्ले मुंडकान्नीकय सांगून न्हंयचे पलतडेक गेलो. ऐरोडी वचून धाकल्या आज्याकडेन बरोच वेळ उलयलो. ''म्हजो एक वांगडी मद्रासा वतलो. तो म्हजें इतलोच शिकला. ताणें आपणा बरोबर यो म्हळां. आमगेल्या गावचेय थंय जाय ते जाण आसात'' ताणें सांगलें. नातवालें धैर्य पळोवन तांकांय बरें दिसलें. ''जायत, वचून यो. आवयक आनी आजेक विसरनाका'' तांणी ताका आशीर्वाद दिलो आनी वाटेर खर्चाक तागेल्या हातार तीस रुपय दवरले. ''थंय पावलो तशें कागद घाल. गरजेक कितेंय धाडन. म्हगेल्या संसारान म्हजेय हात बांदल्यात. तरी शिकप मात अर्दार केन्नाच सोडनाका'' म्हूणय सांगलें. दुसऱ्या दीस सांजे तो मंगळुरा पावलो. मावळयागेर जेवपाकय गेलो ना. नाका जाल्ल्या कोणाकच मेळनासतना आपणाल्या एका गुरूक मेळ्ळो. आपणें शिकिल्ले शाळेंत वचून सर्टिफिकेट घेतलें. एक दोन वळखपत्रां घेवन दुसऱ्या दिसा तो रेल्वेन मद्रासाक भायर सरलो.

कोणालीच वळख नाशिल्लो तो एकटोच आतां रामाचो 'रामराय' जावन रेल्वे गाडयेंतल्यान मदीं मदीं भायर तोंड घालून भोंवतणचो वाठार पळयत वतालो. रात जाली. गाडयेंत न्हिदिल्लो जरी आशिल्लो तरी भायर उगड्यार पडिल्ल्या मळबा भशेन तागेल्या

मनाची गत जाल्ली. सगळेंच वातावरण नवें; नित्सीत अशें कांयच थारायिल्लें ना. दुसऱ्या दिसा सकाळीं मद्रास स्टेशन आयलें तशें आपणालें हातुळण कवळून घेवन तो सकल देंवलो. मानायांनी येवन विचारलें तरी तांचे कडेन तें दिनासतना आपणेंच घेवन दारार तिकेट दिवन "खंय वचप? कोणागेर?" म्हळ्ळया विचारांत पडलो.

तांगेल्या एका इश्टान आपूण मद्रासांत पयलीं पावतलो म्हळ्ळें खरें. ताणें आपणालो पत्तोय दिल्लो खरो. "ताणें सांगलां तशें आयल्यार बरें जालें, येना जाल्यार..." म्हळ्ळो दुबाव आयलो. तोंडार बोट दवरून, मुखाल्ल्यान भरून ओतत लोकांक घेवन वचपी ट्राम, मोटारी तो केदोळ पळयत रावलो कोण जाणा!

O

24

रेल्वे स्टेशनाच्या दारांत उबो रावन तो बरोच वेळ मारगार पळयत रावलो! कोण तरी वळखीचो मेळत काय, ना जाल्यार गांवचो तरी कोण दिसत काय म्हूण विचार करत वाट पळोवन बेजारलो. "हांगा धर्मशाळा नावे?" म्हूण कोणाक तरी विचारून स्टेशना लागी आशिल्ले धर्म शाळेंत पावलो. थंय भायर-भितर यात्रा करपी, भीकमागपी, बेकार बी लोकांनी भरिल्ले पळोवन ताका वीट आयलीं. हांगा आपणालें हातुळण आनी खिशांतले पैशे सांबाळून दवरप साध्य जायत? कोणाचेर भरवंसो दवरून थंय रावप? म्हूणय दिसलें. भायर भितर वतना येतना खिशार एक हात दवरूनच भोंवपाक जाय आशिल्ले.

दनपार सोंपली. सांज आयली. आपणें आयकल्ल्या एक दोन रस्त्यांचीं नांवा सोदत तो भोंवलो. आपणाल्या गुरुन दिल्ल्या वळखपत्रांचो उपयोग जाता काय पळयलें. तांचो उपयोग कॉलेजांत जागो मेळोवपाक जातालो, पूण रावपाक जागो मेळोवपाक न्हय.

निमाणें निराश जावन कॉलेज खंय आसा तें विचारून तिरुवल्लीक्केणिचे दर्या वेळेर गेलो. थंय विशाल दर्या सोबीत दिसतालो. सामखार रेंवेची व्हड मांद्री पातळिल्ली. थंय वचून उबो रावलो. ताका आपणाल्या गांवची सुखदिणी याद आयली. पूण लोकांचो बोवाळ, भीक मागतल्यांची धांदळ, कारींचो भरभर हाका लागून मनाक शांतताय मेळनाशिल्ली. आतां करप कितें? प्रेसिडेन्सी कॉलेज विद्यामंदिरा सामखार रेंवे राशीर बसून तो असोच थंय पळयत रावलो. आपणाल्या नशिबांत आसत तर आपणें थंय येवन रावपाक जातलें म्हळें सपन रंगोवपाक लागलो. त्या लोकांल्या बोवाळा परस तागेलें तें सपन खर आशिल्लें.

त्याच वेळार तागेल्या खांद्यार कोणेंतरी जोरांत थापटिलें. 'रामा' म्हळें. आंगार वागान उडी मारिल्ले भशेन तो भियेलो. 'तूं हांगा कसो?' म्हळ्ळो प्रस्न कानार पडलो. फाटीं फिरून पळय जाल्यार मावशेलो घोव माधव दोगां भुरग्यांक घेवन वेळेर भोंवपाक आयला. ताका मावशी मद्रासा आसा म्हळ्ळी यादय जाली नाशिल्ली. नात्यांतल्यांचो उपकार नाका अशें ताका काळजा थावन दिसतालें. पूण ते घटकेक माधवाक पळोवन ताका जाल्ली खोस सांगपाची न्हय. आपूण आयिल्ल्याचें कारण ताणें सांगलें. उपरांत "रावपाक एक सुवात सोदतां. अजून मेळ्ळी ना" म्हळें. माधव हांसलो "हें कितें? तुगेले मावशेगेर तुका पुरो तितलो जागो ना तर? एक कार्ड म्हाका बरयल्यार हांव स्टेशनार येनाशिल्लों? सदाशिवानय तूं येतलो म्हूण कागद बरयलें ना" म्हळें आनी ताका मैलापुरांत व्हेलो. थंय चोरडांक दवरून "तुगेलें सामान खंय आसा? तें घेवन येवया" म्हळें. दोगीजाण थंयसून धर्मशाळेंत आयले. पूण थंय व्हरसारकें कांय उरलें नाशिल्लें. कुलूप घाल्ली तागेली खोली सताड उकती आशिल्ली. तातुंतलो तागेलो हातुळणा कवळोय ना जाल्लो. रामालें तोंड सामकेंच देंवलें.

"पैशे बी नाशिल्ले मूं?"

"पैशे खिशांतच आसात. तातूंत हातुळण आनी चार आंगाचीं आशिल्लीं. आतां दुसरें घालपाक ना. कितें करचें?" म्हळें.

परगांवांतलो हो पयलोच मार ताका मनाक बरो लागलो. माधवान तागेले फाटीर थापटीत दांयंच जाल्लें ना भशेन "पळय, म्हाका कळयनासतना आयिल्ल्याक ही शिक्षा" म्हूण हांसत म्हळें.

"तें खरें" म्हूण रामान म्हळें.

आपणाक आंध्रांतल्यान मद्रासा बदली जाल्ली खबर माधवान वाटेर येतना सांगली. "थंयचे परस हो गांव बरो आसा. हांगा आमगेल्या गांवांतले खूब जाण आसात" म्हूणय सांगलें.

कृष्णवेणीन रामाली बरीच सरबराय केली. तांगेलें जेवण जाले नंतर "आमा, आका, सगळीं मंगळुरांतच आसात मूं?" म्हूण विचारलें. रामान घडिल्ली सगळी खबर सांगली. तिका तें आयकून तशें अजाप जालें ना. "तें खरें, बाप्पा आसा मेरेन समा आशिल्लें. आतां कितें उरलां?" म्हळें. "नागवेणीचें सोड, तें कशेंय रावपी. उदाक नाशिल्ले कडेनय दीस काडपी. आमाक मात हे पिरायेंत गांवांत रावप म्हळयार दणदणा जायना जाल्यार पुरो!" तिणें म्हळें.

दुसऱ्या दिसा रामाक आंगाचेंय हाडून दिलें. मुखार कितें करतलो म्हूणय ताका विचारलें. देडशीं रुपय पगार मेळपी माधव, चार पांच भुरग्यांक घेवन थंय संवसार करतालो. ताजे कडसून रामाक कितलो आधार मेळटलो तें सांगप कठीण. पूण "जेवणाक हांगा अडचण जावची ना. मंगळूरचो थोडो आधार मेळत तर तुका बी. ए. शिकपाक अडचण जावची ना," ताणें आस्वासन दिलें. रामान खंयच्याकय जाप दिली ना.

माधव ऑफिसांत गेलो तसो तो वळख पत्राचो उपयोग जाता काय पळोवपाक भोंवतालो. खर्चाक पुरो जावपा इतले दुडू मेळटले म्हळळे आशेन तो भोंवतालो. ताका कॉलेजांत त्रास जायनासतना जागो मेळ्ळो. फी आनी हेरा खातीर घरांत पयशे मागचे न्हय म्हूण मैलापुरांत आशिल्ल्या एक दोग मंगळूरकारांचे वळखीन ट्यूशन मेळयलें. दोनतीन कडेन सान भुरग्यांक अभ्यास शिकोवन वीस रुपय मेळोवची वेवस्था केली. हें आयकून माधवाकय खोस जाली. "पूण रामा, दुसऱ्यांक अभ्यास शिकयत तुगेल्या अभ्यासाचें कितें जायत?" म्हूण विचारलें. राम हांसलो.

रामान दोन म्हयने मेरेन धरा कागद बरयलें ना. "राम मद्रासांत आसा" म्हूण माधवा कडसून कळळे नंतर सदाशिवान वायट दिसून रामाक एक कागद बरयिल्लें. रामान मामाक ताजी जाप धाडली ना. इतलेंच न्हय तर आपणाक ताणें माधवाकडेन धाडून दिल्ले वीस रुपय ताका परतून धाडले. "आमगेल्या मनशाकडसून म्हाका कसलोच आधार नाका" म्हूण कळयलें. आपणाक कळिल्ली फाटली गजाल कृष्णवेणीन घोवाक सांगिल्ली. ती कळिल्ल्यान ताका रामाले वागणुकेचें अजाप दिसलें ना. तरी ताणें एक मात सांगलें. "रामा, अडचण जाल्यार मावशेकडेन सांगनासतना मात रावं नाका" म्हूण.

एक पटी माधवान "रामा, धरा कागद बरयिल्लें?" म्हूण विचारिल्ल्याक रामान "ना" म्हळें. माधव उलयलो ना. पूण बायलेकडेन "ताका घरांतल्यांचेरय राग काय कितें? आवयक कितलो हुसको जायत! तूं तरी आकाक एक पत्र बरोवन घाल" म्हळें.

कृष्णवेणीन रामाविशीं आवयक कागद बरयलें. थंयसून "रामान म्हाका कागद कित्याक बरोवचें न्हय?" म्हूण परतें कागद आयलें. तें कृष्णवेणीन रामाल्या हातार दवरलें. राम हांसलो. "अशें कित्याक करता?" म्हूण मावशेन परत परत विचारलें नंतर "तूं रागार जायना जाल्यार सांगतां" म्हळें. "कितें ते?" म्हळ्याक "म्हज्या पोटाचें हांव मेळोवपाक लागतलों तेन्नाच पत्र बरयतलों. तिका आतां कितें बरयतलों? दुसऱ्यालें अन्न खावन जगतां म्हूण? तिणें मंगळूर कित्याक सोडिल्लें?" ताणें परतो मावशेक प्रस्न केलो. कृष्णवेणीक वायट दिसलें. "पुत्रा, हांव आनी ललिता तुका एकच दिसलीं?"तिणें विचारलें. रामान तिजेकडेन पळयत म्हळें. "हांव तसो कांय समजना. म्हाका हांगा कसलीच अडचण ना. पूण मंगळुरांत जें कितें अणभवलें ताका लागून म्हज्या तोंडांत हीं उतरां आयलीं. एक मात खरें, मनशान दुसऱ्याल्या उपकारात रावचें न्हय" म्हळें. तिका समाधान जालें. रामाली बुदवंतकाय पळोवन माधवाक अजाप दिसलें.

मुखार एक दीस कृष्णवेणीकडेन आपूण जावन ताणें "मावशे, रागार जायना जाल्यार सांगतां" म्हळें.

"कितें?"

"हांवें आमाक कागद बरोवचें नाका?"

"तुवें तेन्नाच बरोवपाक जाय आशिल्लें. हांगा येवन चार म्हयने जाले, तरी बरोयलें ना!"

"तशें जाल्यार बरयतां. आतां बरोवपाक हरकत ना. फाल्यांसाकून हांव हांगा जेवपाक येना. एका हॉटेलांत वता. म्हाका आतां एका ट्युशनाचे वीस रुपय दितात. शिवाय दोगांकडसून धा-रुपय मेळटात. तिसांत म्हजें कशेंय जेवपाचें जातलें" रामान म्हळें.

कृष्णवेणीक वायट दिसलें. "पुता, तशेंच तुवें थारायलां? तशें जाल्यार हरकत ना. पूण हांगा दिसाक एक पटी तरी येवन तोंड दाखोवन वच. परगांवांत आपणाले म्हण कोणय आसले बगर रावचे न्हय. तुका त्रास जावचो ना जाल्यार तानेक तरी यो. न्हिदपाक तरी यो. म्हज्या आनंदाक सदां तुगेलेंच ध्यान" तिणें म्हळें.

राम हांसलो. "तशें जाल्यार हांव हांगाच रावतां. पूण थंय जेवतां. म्हजें अन्न हांव जेवतां म्हळळें समाधान म्हाका मेळटलें. म्हजेर तुवें केलो तितलो मोग कोणेंच केलो ना. पूण म्हजी एक तशी सामकीच इत्सा आसा" ताणें म्हळें. तिजो चार वर्सांचो चलो हें उलोवणें आयकून थंय धांवत आयलो. "तूं आमगेर जेवपाक येवचो ना? तशें जाल्यार हांव जेवचोच ना" ताणें म्हळें "तशें ना हां बाबा" रामान म्हळें.

दुसऱ्या दिसा जेवपा वेळार राम ना. माधवाक अजाप जालें. "कितें?" ताणें विचारलें. "कितें करचें? ताजो हट्टच तो. पूण वायट बुद्दीन तो तशें करना" तिणें सांगलें. ते रातीं राम घरा आयिल्ल्या वेळार घरांत आनंदालो गोंदळच गोंदळ! "रामण्णा, आमगेरच जेवपाक जाय तुवें. ना जाल्यार हांव जेवचोच ना" तो हट्ट घेवन बसलो.

रामान त्या दिसा आवयक आनी सानाज्याक कागद बरोवन आपणालो नवो जागो कळयिल्लो आनी आपणाविशींची हेर गजालीय कळयिल्ली. "म्हजे विशीं कसलीच काळजी करनाकात. ह्या क्रिसमसाक हांव गांवांत येवपाचो ना. पयसो राखून दवरून मे म्हयन्यांत घरा येवपाक बरें जातलें" म्हूणय बरयिल्लें. त्या दिसा सांजे रेल्वे गाडयेन वतलें अशे तरेन

तें कागद पोस्टांत उडोवन आयिल्लो. पूण आतां घरा आयलो तसो जाल्लो गोंदळ पळोवन ताका कितें करप तें कळळें ना. रामान कितलेंय सांगलें तरी तो भाचो आयकना जालो. माधव घरा आयलो. ताकाय पुतान केल्लें पळोवन मन कळवळळे भशेन जालें. निमाणें एक विचार ताका येवजलो आनी हांसत ताणें म्हळें. "रामा, हांवय जरा संकोच सोडून सांगतां. तुगेल्या मनांतलेंच खरें करपाक तुवें हॉटेलांतलेंच खावपाक जाय अशें कांय ना न्हय? तुगेले जोडींतल्यान तुवें जेवपाक जाय म्हळळोच तुजो हट्ट न्हय?"

"अशें कितें म्हणटात तुमी? हांव हें हट्टाखातीर करतां तर?"

"तें जावं, आतां तूं हॉटेलांत कितलो दंड भरचो आसा?"

"तो दंड तर? जेवणाचे बारा रुपय दितलों."

"रामा, ते पैशे म्हाका दी आनी हांगाच जेव."

अशे तरेन प्रस्न सुटलो. तशें पळयत तर हें सांगपाक माधवाक संकोच जाल्लो. ताका तें उणाकपणाचें अशेंय दिसलें. रामाकय तशे भावोजीक पयशे दिवन तांगेर जेवप म्हळयार कितेंशेंच दिसलें. पूण आनंदाल्या हट्टाक लागून, एक दीसच हॉटेलांतलें जेवण जेवन समाधान मानचें पडलें.

म्हयनो जालो तेन्ना माधवान बायलेक "कृष्णी, रामान रुपय दिल्यार घे. ताका सांगल्यार कळचें ना. तूं ते घेतिल्ले पयशे तुगेल्या आकाक धाडून दी. पूण ही खबर रामाल्या कानार पडची न्हय हाजी काळजी घे" म्हळें.

कृष्णवेणीक ही युक्त बरी दिसली. तिणें आवयक आनी आकाक सगळें सविस्तर बरयलें. "ताणें दिल्ले पयशेच हांगच्यान हांव धाडटां अशें मात ताका कळोवं नाकात. म्हजीं सोपूत आसा" म्हूण शिटकावणीय दिली.

तें पत्र आयिल्ल्या दिसा नागवेणी आपणाले आवय कडेन पुताली तोखणा करत रडली. "देवा, रामाक पळोवन खोस भोगचें तांगेल्या नशिबांत ना न्हय!" म्हणय रडली. नागवेणीक दर म्हयन्याक बारा रुपय येवपाक लागले. मांव वंणटी भितर लिपोवन दवरतालो तशी तीय दारावेले नागोंदेचे खाचींत ते दवरपाक लागली.

मुखार जाय ते दीस मेरेन नागवेणीक रामाविशींच विचार येताले. वता थंय राम दोळ्यां सामखार येतालो. ताजे वाटेकडेन तिगेले दोळे लागून आशिल्ले. तो मद्रासांत कसो रावता आसतलो, कसो अभ्यास करता आसतलो म्हळळें येवजीत आसताली. कृष्णवेणी पयलीं चड करून आकाक कागद बरयनाशिल्ली. पूण राम आयलो तेन्ना साकून सप्तकांत एक कागद बरोवपाक लागली. राम आपणालोच चलो म्हणचे इतलो तिका अभिमान दिसतालो. माधवाक घरा रावपाक चड वेळ मेळनाशिल्लो. ऑफिसाचे सेवेंतच दीस सोंपतालो. पूण तो घरा पावले नंतर दिसांतल्यान एक वेळ तरी घोव बायल रामाली तोखणा केले बगर रावनाशिल्लीं. तांगेलो व्हडलो पूत रामचंद्र, दुसरो जय, तिसरो सदानंद, चवथो आनंद. ते मामान हातांतलें पुस्तक सकल दवरची वाट पळयत आसताले. आयतार दिसा तागेल्या ट्युशनाक रजा म्हूण ते जाणा आशिल्ले. त्या दिसा सकाळवेच ते बापायक "बाप्पा, मामा वांगडा आमी बिचाक वतले" म्हणटाले. रामण्णाकय त्या भुरग्यांकडेन व्हड जावन खेळप म्हळयार बरें दिसतालें. ती समुद्रा वेळ, पूण कोडींतल्या दर्याची भव्यताय ताका ना, ताजें अनंतत्वय हाका ना. थंयची शांततायय हांगा ना. तरी हो समुद्र; तेंच पागपी, तींच व्हडीं,

तसल्योच रेंवेंच्यो राशी. लोकांचो बोवाळ एक हांगा ना जाल्यार, त्या समुद्राच्या गाजा सामखार आपणाल्यो मोटारगाड्योच विमानां म्हूण समजून मिरोवपी ना जाल्यार तो एक घटका भर थंय बसतलो आशिल्लो. सांबशिवा म्हूण भीक मागपी ना जाल्यार त्या दर्याची सोबीतकाय आनिकूय बरी दिसताली जावंये! तरी पूण आसा तातूंत तो समाधान घेतालो.

मार्च म्हयनो सोंपलो. रामान मद्रासाक येवन आठ म्हयने जाल्ले. एप्रिलांत रामण्णा गांवांत वचत म्हूण त्या चल्याक दिसलें. "रामण्णा, तूं गांवा वतलो येत्या म्हयन्यांत? आमकां सोडून वचनाका. तुवें हांगाच रावपाक जाय" म्हूण तो म्हणपाक लागलो.रामाक आवयक पळयन दिशिल्लें. पूण "गांवांत वचया म्हळयार पयसो ना. रेल्वे आनी मोटारीक पंचवीस तीस रुपय दंड भरपाक जाय. ताका पयसो नाका?" अशें दिसलें आनी ताणें आवयक कागद बरयलें.

"हांवें गांवा येना जाल्यार जायना? इंटर सोंपोवनच आयल्यार जावपाचें ना? रेल्वे खातीर दंड भरप कित्याक? हांगा भाचरांय वचनाका म्हणटात. पैसोय खर्च जातलो म्हूण येवप नाकाशें दिसता." ताणें बरयलें. नागवेणीन "पुता, चार दिसां खातीर तरी यो. हांगा तुका बेजार आयलो जाल्यार बेगीन परत वच. तुका पळोवचें अशें म्हाका दिसता. तुगेले आजेकय तुका पळयनशें जालां. फकत व्हायोलीन वाजोवन कितलें समाधान मेळत?" म्हूण परतून जाप धाडली.

रामाक घरा वचचेंच पडलें. वतना ताजेकडेन पयशे नाशिल्ले. माधवान ताका पयशे दिले. मनांत नासतनाय ताका ते घेवन भायर सरचें पडलें. मद्रासु साकून दुसऱ्या दिसा सांजे मंगळुरा पावलो. प्रवासांतलो एक पांवडो सोंपलो. त्या दिसा रातीं "खंय रावप? मामागेर वचचें काय नाका?" म्हळो विचार ताका पडलो. "नाका" अशेंच निमाणें थारावन रातीं एका हॉस्टेलांत रावन कोणालेय नदरेक पडनासतना सकाळची मोटार धरली.

"पूत आयल्यार चार पापड तरी घरांत आसपाक जाय न्हय?" नागवेणीन आनी तागेले आवयन उडीद दळून पीठ केल्लें. तें कालोवन दनपारच्या वेळार लाटत आशिल्लीं. राम दनपारां दोनाक ऐरोडींतल्या घरा पावलो. तानेक घेतलें तशें "सानाजे, आमां कोडोक वतां" म्हूण भायरच सरलो.

आपणाल्या घरा मुखार पावलो तशें ताणें गायच्या वासरा सारको "अंबा!" असो आवाज काडून आवयची मजा करया म्हळें. "आरे, तुंगी सुटलें काय कितें? काय बांदलेंचें ना? दूद सगळें लुचलें आसतलें!" नागवेणीन आंगणांत येवन पळय जाल्यार 'हें कपिलेचें नातवांसूर तुंगी न्हय, तर आपणालेंच वांसूर राम!' म्हूण तिका लक्षांत येवपाक आनी ताणें "आमा!" म्हूण आपोवपाक सारकीच गांठ पडली.

"जेवण जालां तुजें?"

"ऐरोडींत आजेगेर फळार घेतलां; जेवण नाका" रामान म्हळें.

"पिशा, जेवनासतना रांवनयो. नागू, ताका आतां कांय कळचें ना. जेवण सारकें घेना जाल्यार ताजो वायट परिणाम मुखार व्हडपणांत जाता. आतां आंगात बळ आसता. जेवना जाल्यार कांय दिसना. चल, तूं रांद" आजेन म्हळें.

रामान आवयलो हात धरून तिका थांबयत "नाका आमा, तुका पळोवन म्हजें पोट भरलें" म्हळें. नागवेणीन आपणें पापड करपाक हातांत घेतिल्ले गुळयेक इल्लें तेल लावन

"पीठी खाता?" म्हूण विचारलें. सानपणांत आपणें खाल्ल्या पापडा गुळयेची याद जावन ताणें ती एकच खेपेक खावनच उडयली.

त्या दिसा घरांत परब! राम घरांत आयिल्ल्याची खोस घरांतल्या कोनशा-कोनशातय दिसताली. हांगेल्या बोवाळांत तुंगीन दोळे चुकोवन आवयलें दूद पिवन रामाक दूद नासतना रावपाची पाळी हाडिल्ली तांकां कळ्ळीच ना. घरांत व्हडा व्हडान उलयिल्लो आवाज आयकून सुराली सून बच्ची धांवन आयली. "आरे, धाकले धनी केन्ना पावले...? मद्रास तशें व्हड शार? आमगेल्या हंगारकट्टे भशेन आसा?" म्हूण उलोवन तिणें रामाली खबर घेतली.

रामान हांसत "बच्ची, मद्रास आमगेले कोडीपरस व्होड तर! हांगा आसात तितलेय लोक थंय नात. आसतले फकत तीन-चार लाख लोक..." म्हूण तिगेली मस्करी केली. ताका समुद्रार वचपाची उत्सा जाली. "पुता, दर्या खंय धांवन वचपाचो ना. सांज मेरेन थंय आसतलो. आतां आवाऱ्यार पांय दवरपाक जायना. वत सामकेंच तापलां. मात वत मोव जाले नंतर गेल्यार जालें. पुरो जावन आयला. एक मांदरी घालून न्हीद" आजेन सांगलें. राम हांसलो. "आजे, जमीन तापल्या म्हळें खरें. येतना शेता मेरेरय पांय लासताले. आमगेल्या तळयावेली रेंव तर रखरखताली."

"अशें आसतना तूं समुद्रा वेळेर भायर सरला!"

"आजे, तूं कितें जाणा? कोणें तरी म्हळें, आमगेलो कोडींतलो समुद्र मे रजेंत कुंदापुरा वतलो म्हूण. तो वचचे पयलीं पळोवन घेवया म्हूण गडबड केली" ताणें म्हळें.

"हांव कितें बच्ची? तुवें सांगिल्लें खरें म्हणपाक?" आजेन म्हळें.

तागेलीं उतरां कौतुकान आयकत पदर हातांत घेवन पोले टेकून बच्ची बशिल्ली. "सान धनयालीं भुरगेपणां अजून गेलीं नात" म्हूण तिका दिसलें.

"हय बच्ची, खाड धवें जावपाचीं वेळ आयलो; आतां कालचीं पोरां; बुद्दच नासता" रामा मस्कऱ्यो करीत उलयतालो.

उलोवण्यांत आनी मस्कऱ्यांत पापडा पीठी थंयच उरली. ताजी याद जावन नागवेणी लाटपाक बसली. "आमा, हांवय पापड लाट्टां" रामान म्हळें.

"मद्रासांत तेंय शिकयतात?" आवयन विचारलें.

"मद्रासांतल्या पापडाचें तुका कितें खबर आसा? थंय कागदा भशेन पातळ पापड करतात. तोंडांत घालता म्हणसर नाच जाता. कोडींतले भशेन शेणी करनात" अशें ताणें म्हळें.

"तुगेलें मद्रास व्होडच रे सायबा" आवयन म्हळें.

पूत पापड लाटपाक म्हूण गेलो आनी लाटणी लाटफळयाक पीठ सगळें चिकटावन "आमा, पापड पळय कसो जाला..." म्हुण दाखोवपाक लागलो.

"तुगेल्या कॉलेजांतलो पापड हो आसतलो!"

"आवयस, मद्रासा वचून आयिल्ल्याक एक पापड करपय जमना!" म्हणत बच्चीनय रामाली मस्करी केली.

"बच्ची, थंय पोळया पिठाचे पापड करतात. अशे न्हय" रामान म्हळें.

"हय गे भाटकान्नी!" तिणें कांयच कळनाशिल्ले भशेन विचारलें.

सांजे मेरेन पुताक आवयन आनेक पटी फळार दिलो. "आजे, तूं रांदप कर. आमाक घेवन समुद्रा वेळेर वचन शें दिसता. थंय मावशेल्या चोरडां वांगडा वतालों. कितलीं बरीं गे तीं चोरडां!" म्हूण तांगेली ताणें तोखणा केली. भोंवपाक वतना "बच्ची, समुद्रार वारो खावपाक तूं येना?" म्हूण तिका विचारलें.

बच्चीन "सानधनया, जेवपाक नाशिल्ल्या दिसा आमी तेंच खातात" तिणें हांसत म्हळें. राम हांसलो. पूण ताका वायटय दिसलें. वतना ताणें "आमा, बच्चीगेरचे कशे आसात?" म्हूण विचारलें.

"आतां तिणें सांगिल्लें आयकलें ना? तशेंच."

"पाप!" रामान म्हळें.

शिट्यार चडटनाच दिशिल्लो आपणालो दर्या पळोवन चलो खोशेन पिसोच जालो. मुखाल्ल्यान येवपी वाऱ्याक तोंड दिवन तो व्हडान वदरलो.

"पिशें लागलां रे! थंय समुद्रार सदां वता म्हणटा आनी..."

"सदां गेलो म्हूण कितें जालें आमा? ह्या दर्याची ताका सर आसा? हांगा असो पिसो जावन वदरलों तसो थंय वदरल्यार पिश्या आस्पत्रेंत व्हरतले. सांज जाली तशें थंय रेवें वेळेर सकल्ली रेंवय दिसना. तितले लोक भरतात. ही शांतताय थंय खंय मेळटा?"

"आमगेलो समुद्र थंयचे परस सोबीत म्हणटा तूं?"

"आमगेलें आमकां सदांच बरें दिसता."

"जावं, मद्रासा वचून मस्कऱ्यो करपाक शिकलो तूं!"

"मावशीय तशेंच म्हणटा. हांव पोट भरून उलयतां खंय! खरें आमा तें?"

"हय पुता, तूं चड उलयता खरो. मागशीं मंगळुरांत तुगेले जिबेक लगाम घाल्ले भशेन आसतालो. आतां तसो दिसना."

"हय आमा, अवंदू म्हाका उमेद दिसता. तुमी हांगा कशीं आसात आमा?"

"तुगेलो हुसको सोडल्यार आमकां कसलीच कांळजी ना. मदें मदें सानबाप्पा येवन चवकशी करून वता."

"वेळ बरो वता? व्हायोलीन वाजयता तूं?"

"वाजयतां पुता, पूण सदांच वाजयना. तुगेलो विचारच चड येत आसता. तरी वाजयतां. आयकुपाक बच्ची येता. "आमा, कितें तें टोंय टोंय करतात तुमी?" म्हूण विचारता. आयकतां, आयकतां "आमा, तें वाजोवन कितें मेळटा?" म्हूणय विचारता. "वेळ काडपाक" म्हूण हांव जाप दितां. तें वाजोवन बेजार आयल्यार आमगेल्या तुंगीक खेळयतां. तें वासूर तर आतां रांदचे कुडींतय येवन जेवतनाय आमगेल्या आंगाक आपणालें आंग घांसता! त्या मोन्या प्राण्याचोय कितलो मोग!"

"तांकां आशिल्लो मोग मनशांत ना आमा!"

"तें खरें पुता."

उलयत समुद्रा वेळ आयली. समुद्रा वेळेर बसून तोंडाक पुरो जा मेरेन तांगेलीं उलोवणीं जालीं. सांज आयिल्लीय तांकां कळ्ळी ना. कावळ्यांची रांग तांगेल्या मात्यावेल्यान उडली तरी तांकां तें लक्षांत आयलें ना. पैसले बेंगरेंत सुकोवपाक वतांत घाल्लें नुस्तें एक कडेन करतना तांगेल्या नाकांत घुसत आशिल्ली घाणय तांकां आयली ना.

रात जाल्ल्यान तांकां उटचेंच पडलें. "गिमाचे दीस. चान्नेंय ना. पांया कडेन पळयत वचपाक जाय" म्हणत गिमांत वाऱ्या खातीर वाटेर येवन पडपी जिवाण्याचें भंयान सावकास चमकत घरा पावलीं. वाटेंत कवाश्या घोंगल्लांतल्यान पापडाचोसो वास भायर सरलो. "थंय घोणसो आसतलो न्हय, आमा?" रामान म्हळें.

"आसतलो, सगळे कडेन आसता तो."

राम घरच्या तळयार गेलो. आवय पांय धुवन घरांत गेली. राम उदकांत देंवलो आनी गळयामेरेन उदकांत वचून, तोंडांत उदाक घेवन 'गुळुगुळू' आवाज करीत बरोच वेळ रावलो.

आवयन येवन "रामा, मद्रासांत न्हालोच ना काय कितें?" म्हळे नंतर तो वयर आयलो. जेवपाक बसलो. जेवन जालें. जेवन जातकच आजेन "पुता, काजू बियेची उपकरी कशी जाल्ली?" म्हूण विचारलें.

"आं! काजू बियेची! कोणें खाली?" ताणें म्हळें. आवय आनी आजी दोगांय हांसलीं. "तुका उलयतना जेविल्लेच लक्षांत वचना पिश्या! हांवें बच्चीक सांगून काजू बियो हाडून उकडल्यो. पुतान खावचें म्हूण फोण्ण घालून वाडल्यार, बकासुरा भशेन तोंडांत घाल्लें ध्यानांतच गेलें ना म्हळयार...!" आजेन म्हळें.

रामय हांसलो. "आरे, हांवें खाल्लें तर? जावं फाल्यां परत कर. वाडचे पयलीं 'हे काजू-बियेचे' म्हूण याद कर. तेन्ना खावन कशें जालां सांगतां" ताणें म्हळें.

ते रातीं जेवन आवय पुतान परतून उलोवणीं सुरु केलीं. आजेक तांचें उलोवप आयकून पुरो जालें. "पुता, आजच सगळें उलोवन सोंपयल्यार फाल्यांक नाका? नागवेणी, तुकाय कळना? मद्रासांतल्यान पुरो जावन आयिल्ल्या चल्यान न्हिदचें नाका?" म्हूण तिणें गवजी घाली.

न्हिदिल्लेकडेन जाणटेलेक आयकुचें न्हय अशे तरेन आवय पूत कुजबुजत उलोवपाक लागलीं. "तुका कृष्णीगेर कशें दिसता?" म्हूण आवयन विचारलें. "मावशेंत आनी ललिता मामेत अजगजांतर आसा" रामान म्हळें.

उलोवन तांकां पुरो जालें. तोंड बंद करून न्हिदचें पडलें. वरभर जालो तरी रामाक न्हीद आयली ना. "आमा!" ताणें म्हळें.

"उं" जाप आयली.

"तुका न्हीद आयली ना?"

"ना पुता, आज येवचीय ना."

"तशें जाल्यार यो, आवाऱ्यार वचया. बरो थंड वारो व्हांवता."

"नाका पुता. आमाक राग येत."

"आजेक? आजी घोरेता. ताडमाडाच्या आवाजांत तर तिका कांयच आयकुचें ना. चल वचया. तुगेलें व्हायोलीन आयकुचें अशें दिसता."

पुताली पिशेपणाची मागणी आवयकय मानची पडली. चोरा भशेन आवाज करिनासतना घरा फाटल्या आवाऱ्यार तांणी पाव मेरेन अष्टमीचो चंद्र मळबार आयिल्लो. ताजो झिळमिळटो उजवाड समुद्रार पयस मेरेन पातळत तरसादीचे पातयेभशेन चकचकतालो. नागवेणीन व्हायोलीन सुरु केलें. तिगेलें मन खंयचे खंय व्हांवत आशिल्लें. आंगणभर

नांचपी, कानावारें घुंशिल्ल्या पाडकाची गत तिजी जाल्ली. "इतलीं वर्सां जालीं, अजून तुका व्हायोलीन सारकें वाजोवपाक जमना...!" म्हणत रामान हांसत तिगेल्या हातांतल्यान तें आपणें घेतलें. बटणां फिरोवन तंतू घट्ट करून धनु ओडलो. तंतुवेल्यो दोनच दोन सुरांत दक्षीण कोडीसाकून उत्तर कोडी मेरेनची भूंय कंप जाल्ले भशेन जाली. कुल्लेक हुंगून ती खावची काय खावची न्हय म्हूण टक लावन पळोवपी समुद्रा वेळेवेल्या कोल्या भशेन नागवेणीले दोळे पुताले तोंड अजापान पळयताली.

रामाले हात दर्या ल्हारां वांगडा सूर घेवपाक लागले. मंद व्हांवपी वाऱ्यांत भोंवरो जसो घुंवता तसो रामान एक आलाप काडलो आनी तो वयर वयर व्हरत, चडयत देंवयत सगळे वटेन पसरायत घुंवोवपाक लागलो. मळबार सुक्र उदेलो तरी रामालो हात थांबलो ना.

भात कांडपाक सकाळींच मांदरेवेल्यान उठिल्ली बच्ची, व्हायोलीनाचो आवाज आयकून "नागवेणी आमाक कसलें पिशें कोण जाणा!" म्हणत आवाजाचो थाव घेत थंय पावली. तिणें थंय दोगांक बशिल्लीं पळयल्लीं. नागवेणी पाशाणा म्हूर्त कशी बशिल्ली आनी राम पिसो कसो! वाऱ्या झोत तागेले काळीज हालयताले. बच्चीन "आमा, तुमगेल्या चल्याकय तुमचे भशेन हें टुंयू करचें पिशें आसा तर!" म्हळें.

ते घटकेक तागेलो रागालाप सोंपलो, ध्यान सोंपलें. दोगांचे दोळे उगडले. "तूं हांगा कित्याक आयलें बच्ची?" रामान विचारलें.

"आमा, ह्या करकरान न्हीद येत!" हांसत बच्चीन म्हळें. "एक उतर ना, एक पद ना, फकत टुंय टुंय अशें कितले वेळ करप? सान धनयाक न्हीदय येना?"

नागवेणीक आवयली याद आयली. "वचया पुता" म्हळें. "राम व्हायोलीन वाजोवपांत इतलो खांपो कसो जालो?" म्हूण आवयक अजाप जालें. "मद्रासा वचून तूं हें शिकलो म्हळळें तितलेंच आसा; मंगळुरांत हांवें वाजयिल्लें आयकून शिकलो?"

"तेन्ना तुका खबर नासतना आयकतालों. आतांय कोणाकय कळनयो अशें वाजयतां. कोण जाणा, लोकां मुखार वाजोवपाक धैर्य जायना. आतां हे बच्चीक मात कळळें."

"हांवें म्हळळे तें सान धनयाक वायट दिसलें?"

"ना बच्ची, हांवें मस्कऱ्यान म्हळें."

घरा वचून पळयल्यार जाणटेली न्हिदूनच आशिल्ली. तांणीय हातुळणार ताणून घेतलें. त्या दिसा तांकां जाग आयिल्ल्या वेळार खर वत तांचे मांदरेकय तापयतालें.

○

25

सुखाच्यो घटका वतना कळच नात. तशे रजेचे दीस सोंपिल्ले रामाक कळळेच नात. जून आयिल्ल्याक ज्येष्ट म्हयन्याचो पावस पडलो आनी आवय-पुतालें सुखा-सपन भंगलें. आनेक सप्तकांत रामान मद्रास पावपाक जाय, तागेले कॉलेज सुरू जावपाक आनिकूय चार दीस आसतले. पूण ताणें शिकोवपाचीं घरां नात? तीं हातांतलीं चुकपाक जायनात. ताणें बेगीन पावपाचें थारायलें. तितल्यांत एक अपूर्व योग घडलो. आपणाल्या भावालो चलो गांवा आयला म्हळें आयकून, कितल्या तरी युगांनी म्हळे भशेन मंदर्तीसाकून सुब्बी कोडीक आयली. नण्डेक आनी नण्डेल्या चल्याक पळयनासतना धा वर्सां जाल्लीं आसतलीं. कोडींतलें घर बंद आसा म्हूण तिणें केन्ना तरी आयकल्लें. हालीं थंय परत रावपाक आयल्यात म्हूणय तिणें आयकल्लें. पूण सुब्बीलो संसारा व्याप व्होड आशिल्लो. तातूंत चड-उतारय उणे नाशिल्ले. आंता ती आठ भुरग्यांली आवय. चोरडांलें काडप, घरचें काम करप हातूंत तिका दीसभर एक खीणय मेकळीक मेळनाशिल्ली. तरी पूण मदीं मदीं कुळाराची याद जाताली. पूण थंय कोण आसा म्हूण जावनाका!

आवयल्या बाराव्याक ती आयिल्ली. तो वोरटागेरच जाल्लो. थंय रावप तिका बरें दिसलें ना. त्याच दिसा ती परत गेली. तेन्ना आयिल्ल्या वेळार लद्यान तिजेकडेन सारकें पळयलें देखून ना. आतांय येतना तिका दुबाव मारतालो! आपणाल्या भावाल्या दुश्टपणाक लागून दणदणा भोगपी तागेली बायल, गरिबींत तापत्रय सोंसता आसतना आपणाक पळोवन तिका कितें दिसतलें कोण जाणा! पूण कोणेंय जाप जरी दिली ना, तरी बापायन बांदिल्लें घर तरी नदरेक पडटलें न्हय! राम व्हड जाल्लो आसल्यार ताका पळोवन आपणाल्या कुळाराची वाल वाडत आसा म्हळें तरी समाधान मेळटलें न्हय म्हळया विचारान ती कोडीक आयिल्ली. येतना चोरडांक कोणाकच हाडलें ना. हाडपाक धैर्य जालें ना. ते आसतीत वो नासतीत; घर उकतें आसत वो नासत; राम आयला म्हळें खरें आसत वो नासतय म्हळया दुबावान एकटीच आयिल्ली. ती न्हंयेकडेन पावपाक आनी मुखाल्ल्यान राम व्हाळांतल्यान भायर येवपाक गांठ पडली. मुखार येता त्या मनशाक विचारचें म्हूण तिणें, "पुता, ऐताळागेर आतां कोण आसात?" म्हूण विचारलें.

"कित्याक? म्हजी आवय आसा" रामान म्हळें.

"राम रे तूं? कितलो व्होड जालो शाण्या! पुता, आतां खंय वता? हांव तुकाच पळोवपाक आयलें पुता." तिणें उदकांत उबी रावनच म्हळें.

रामाक ती कोण कितें म्हळें कळळें ना. सानपणांतली ती याद आतां कशी आसत? तरी आपणाकडेन इतली बरी जी उलयता तिजेकडेन लक्ष दिनासतना वचप बरें न्हय अशें येवजून "माये, हांव आतां मद्रासाक वतां. सानआज्यागेर वचून दनपारां मोटारार मंगळूरा वचपाक जाय. तुमी कोण?"

“म्हजें येवप फुकट वचत पुता? हांव तुगेली आत्या न्हय रामा? मंदर्ती आत्याली वळख मेळना तुका पुता?” तिणें विचारलें.

रामाल्या तोंडार हांसो फुल्लो. “कोण? सुब्बी आत्या! हांव विसरलों तरी तूं विसरली ना. यो वचया” म्हणत मद्रासा वचपाक भायर सरिल्लो घरा परतलो.

“आत्या, तुका केन्ना पळयिल्लें कोण जाणा!”

“तेन्ना पुता, तूं वेंतभर आशिल्लो. आतां बरो व्होड जाला. म्हजी आवय जि़ती आसताली जाल्यार तुमगेर हांव येवन तुका जाय ते खेप पळयतली आशिल्ली. तुगेल्या बाप्पायनय हात सोडलो आनी हांवेंय येवचें सोडलें. हांगा कोण आसा म्हूण येवप? तुगेले आवयन येवन कितले दीस जाले?”

वाटभर सगळी गजाल सांगत राम येतालो. राम परत येवन आंगणांत राविल्लो पळोवन नागवेणीक अजाप जालें. “कितें विसरून गेलो पुता?” म्हूण विचारल्यार “सुब्बी आत्याक” म्हणत हांसलो.

त्या दिसा रामान सुब्बी आत्याकडसून आज्या मुस्तींतली खबर, बापायचें ल्हानपण आदी आपणाल्या घरांतल्यो घडणुको बी परत परत आयकून घेवन समाधान मेळयलें. सुब्बी आत्यान विसरनासतना हाडिल्ले पणसापापड तशेच कुडके करून खायत खायत “ए आत्या, तुवें येवपाक एकच एक घटका वेळ जाल्यार ह्या रामाक पळोवपाचो तुका योग मेळनाशिल्लो” म्हळें.

रामान मंदर्तीक येवचे खातीर सुब्बी आत्यान आगरोच केलो. तिणें दाखयिल्ल्या मायेमोगान रामालें मन सामकेंच भरून आयलें. वेळ नाशिल्लो तरी एक राती खातीर येतां म्हूण दुसऱ्या दिसा तिज्या वांगडा वचून आपणाल्या आतेभावंडांक पळोवन आयलो. “आत्या, मुखावेले रजेंत गांवा आयिल्ल्या वेळार तुमगेर चुकनासतना येतां” म्हूण तिका भरवंसो दिवन गेलो. थंयसून ताकतिकेन तो मद्रासा वचपाक भायर सरलो.

हे खेप रेल्वे प्रवासांत सुब्बी आत्याच तागेल्या दोळयां मुखार दिसताली. फाटोफाट बापायविशींचो ताजो तर्क सुरू जातालो. “तो खंय आसत काय? ताजें कितें जाल्लें आसत काय?” म्हळ्ळो विचार ताका येतालो. “मागशी एक पटी आयिल्ल्या वेळार विजयनगरांत आसा म्हूण आयकल्लें. थंय वचून ताका पळोवचें न्हय कित्याक?” ताका मनांत दिसपाक लागलें.

ताजे विचार घुंवतात तशीं रेल्वे गाडी धाडधाड करीत घुंवतेर मद्रासाक पावली. दोन दीस तो आनंदाकडेन खेळत आशिल्लो. तिसऱ्या दिसा ताणें शिकोवणी सुरु केली.

*　　　*　　　*　　　*

आतां इंटरमिडियेटाचें दुसरें वर्स. अभ्यास कठीण जायत वतालो. डिसेंबरांत सिलेक्शन परिक्षा आशिल्ली. वाचून वाचून दोळे सुजले. कशेंय आसूं, परिक्षेक बसचेंच अशें ताणें थारायलें. मुखाल्ले तीन म्हयने कशे काडप म्हळ्ळी ताका चिंता लागली. कांयच सुचना जालें. ताणें घरा कागद बरयलें. “आमा, कोणाकडेन विचारपाकच तोंड येना. आतां शिकोवपाचें आनी हांवें अभ्यास करपाचें दोनूय करपाक म्हाका जमना. तीन म्हयने मेरेन शिकोवप बंद दवरपाक जाय अशें दिसता. तशें बंद केल्याक खर्चा पयश्यांचें कितें करप?”

म्हूण तातूंत आशिल्लें. माधवाक हें कळिल्लें. ताणें ताका आपोवन "राम, आतां ट्युशन बंद कर. मार्च मेरेन तुका लागता ते पैशे हांव दितां. तुका जाय जाल्यार ते मुकार म्हाका पावयल्यारय जाता" म्हूण सांगलें.

रामाक दुसरी वाट दिसना जाली. तरी माधवा कडसून पैशे घेवप समा न्हय अशें ताका दिसलें. "आतां कितें करप?" म्हूण तो विचार करत आसतनाच आवय कडसून पन्नास रुपयाची मनिऑर्डर आयली! रामाक तशी येत अशें सपनांतय दिसूंक नाशिल्लें. आवयन सानाज्याकडेन मागले आसतले. ते परस आपणेंच ते मागल्यार जातालें अशें ताका दिसलें. पूण दुसऱ्या दिसाच एक कागद पावलें. "पुता, कांय दिसां पयलीं घरा फाटल्यान एक खिडकी करची म्हूण वणत फोडटना शंभर रुपय भरिल्लो एक करंडो मेळ्ळो. तुगेल्या आज्यान दवरिल्लो तो. कशेंय आसूं, जाय तेन्नाच मेळ्ळो! काळजीन ते खर्च कर. चड जाय जाल्यार बरय" आवयन त्या कागदांत बरयिल्लें. रामाक ताजेर भरवंसो दवरप काय न्हय हें कळ्ळें ना. ताका आज्याली गजाल आयकून कळिल्ली. आज्यान लिपोवन दवरिल्ले पयशे एक पटी पुतान चोरिल्ल्यान घरांत जाल्लो बोवाळ तो जाणा आशिल्लो. पूण आज्याले पयशे आपणाक मेळत म्हळ्ळें मात ताजे कल्पने भायली गजाल आशिल्ली.

कृष्णवेणीनय तें कागद वाचून पळयलें. "कितेंय जावं, आतां भार उणो जालो न्हय. थंडसाणेन अभ्यास करपाक जातलो" तिणें म्हळें.

तशें मेळिल्ले खरे आसत काय म्हळ्ळो तिका दुबाव मारलो. हें खरें आसत तर रामान घर पाडयल्यार गिरेस्त जावपाक कांयच हरकत ना अशें तिका दिसलें.

खरी गजाल म्हळयार रामान जेवणाचे म्हूण कृष्णवेणीक दिल्ले पयशेच कोडीक गेल्ले, ते आतां परत आयिल्ले. नागवेणीक बच्चीन सांगिल्ली गजाल लक्षांत आशिल्ल्यान पैशे मेळिल्ल्याचें एक कारण सांगपाक वाट सोपी जाल्ली इतलेंच. खरें कितें तें पुताले बी.ए. जाल्या उपरांतच ताका सांगचें म्हूणय तिणें थारायिल्लें.

अभ्यास उमेदींत चलता आसतनाच रामाली इंटर परीक्षा सोंपली. परतून ट्यूशन घेवचो ताणें विचार केलो. पूण तें मेळ्ळें ना. परीक्षेच्या निमतान शिकोवप बंद केल्ल्यान ताजे कडेन आदीं ट्युशनाक येताले ते ताजेर बेजारिल्ले. एका घरांत मात दुसऱ्याक ट्युशनाक लायलें नाशिल्लें. तांगेर रामाक परतून आपयिल्लें. पंद्रा दिसाचें शिकोवप जालें तशे थोडे पयशेय हातार पडिल्ले.

रामाक घरसाकून कागद आयलें "घरा यो" म्हूण. वचपाचें मन ना तर? आसा. पूण पैसो खर्च कसो करप? मुखार बी. ए. क खूब त्रास आसा. चड पयशे लागतले. ते खातीर रजेंत काम करचें म्हूण ताणें येवजिलें. तागेल्या मनांत आदीं तोच विचार आशिल्लो. शिवाय पयसो मेळ्ळो जाल्यार "बापूय म्हळ्ळो कसो आसा, कितें करता, तें पळोवपाक जाय" म्हळ्ळो परिहासयुक्त विचारय तकलेंत घट्ट बशिल्लो. त्याच वेळार बरेच दीस मेरेन गांवा पावलो नाशिल्लो माधव बायले वांगडा गांवा वचून येवपाचो विचार करतालो. "हांव घर राखतां" म्हूण रामान म्हळयार "घर राखचें नाका. तूंवय यो. तुगेलो एकट्यालो खर्च तसो चड जावचो ना" माधवान म्हळें. पूण रामान तेन्ना वचचेंच न्हय म्हूण थारायिल्लें.

कृष्णवेणी मंगळूरा आयली. माधवालें घर उडुपींत आशिल्लें. भुरग्यां वांगडा ती थंय गेली. थंयसून आकाल्या घरा वचपाची इत्सा जावन आवय आनी आका आशिल्ले कडेन

ती आयली.धुवेक पळोवन आवयक खूब आनंद जालो. भयणीक पळोवन नागवेणीक खोस जाली. “पूण राम आयलो ना न्हय!” म्हूण तिका वायट दिसलें. त्या घरांतल्यां मुखार कृष्णवेणीन रामाली खूबच तुस्त केली. खंयच्याय विशयार उलयतना “राम असो, राम तसो” म्हणत ती रामाली तोखणा करीत आसताली. तें आयकून तागेले आवयक आपणें जुवानपणांत काडिल्ले दणदण आनी आतां काडचे त्रास सगळयांचें सार्थक जालें कशें दिसलें.

भयणीन एक दिस आपणाल्या आकाक “आका, तुवें व्हायोलीन शिकिल्लें खंय पावलें?” म्हूण विचारलें. वेळ वचना म्हूण तिणें तें वाजयलें. “कितलें बरें वाजयता तूं आका! म्हगेल्या जयाक बारा वर्सां जालीं. कोणय शिकोवपी मेळ्ळयार ताका शिकोवया अशें दिसता. पूण धा-बारा रुपय घेतले शिवाय आतां कोणच शिकोवपी मेळनात. फकत संगीत शिकोवपाक तितले दिल्यार चोरडाली शाळा, जेवण खाण, भाडें, दूद ह्या सगळयाक पयशे खंयच्यान हाडप? हांगा सगळयांनी मेळून येवचें म्हूण केल्यार पांच वर्सां हात बांदून वाट पळोवची पडली” कृष्णवेणीन भयणी कडेन म्हळें.

नागवेणीन “कित्याक? राम ना? तागेलें व्हायोलीन वाजोवप म्हजे परस धा पटीन बरें आसा” म्हणत ताणें मागशी तो आयिल्ल्या वेळार घडिल्ली खबर सांगली. कृष्णवेणीक तें आयकून अजापार अजाप जालें! “पूण चोरान आतां मेरेन घरांत व्हायोलीन हाडलें ना, एक पदय म्हळें ना. खंय तरी ट्यूशन बिशन म्हूण शिकयता काय कोण जाणा!” तिणे म्हळें. आवयकडसून रामाल्या व्हायोलीनाची खबर चोरडांक कळ्ळी. “अरे, रामण्णान फसयले! रामण्णाक संगीत येता काय म्हूण विचारल्यार ‘नाच्च’ म्हूण म्हणटालो!” तांणी म्हळें.

रामान मे म्हयनो मद्रासांतल्या धगांतच काडलो. पयसो, पयसो म्हणत शिकवण करत भोंवलो. पूण ह्या पटी संगीत शिकोवपाचें धरलें, शाळेंतली पोपटपंची न्हय. आपणें परते येवपाचो दीस माधवान कागदांत बरयिल्लो. तो त्या दिसा सेंट्रल स्टेशनार वचून गाडयेची वाट पळयत उबो राविल्लो. रामालें तोंड दिसलें मात, चोरडांनी “चोर खंयचो मामा! व्हायोलीन!” म्हळें. ताका कितें म्हूणच कळ्ळें ना. पूण घरा येतना वाटेर नागवेणीन तागेली चोरी भायर पडिल्ली गजाल सांगली. आनंद तर “रामण्णा, व्हायोलीन वाजयना जाल्यार हांव जेवच ना” म्हूण हट्टच घेवन बसलो. तांचें समाधान करपाक, कोणागेर तरी टांगोवन दवरिल्लें आपणालें व्हायोलीन हाडून, कवडां बंद करून तें ताका वाजोवचें पडलें. कृष्णवेणीक गायन आयकून खोस जाली. “राम,तुका फुरसद मेळटा काय ना हांव नकळ. पूण तुवें कोणाक न्हय जालें तरी जयाक मात हें शिकोवपाक जाय” नागवेणीन म्हळें. रामान मस्कऱ्याक “जायत, पूण जेवणाचो खर्च थंय बादाबाद” म्हळें.

जयालें व्हायोलीन शिकप सुरु जालें. रामान मावशेक जेवणाचे पैशे दिवपाक गेल्यार “उं हूं, तुवें कितें सांगिल्ले?” म्हूण नागवेणीन म्हळें. रामाक राग आयलो. “ना, तुवें घेवपाकच जाय. म्हाका आतां पयशे मेळटात,” म्हळें. कृष्णवेणीन “पुता, तुगेले आवयक हांव पैसलें तर?” म्हळें. तेन्ना रामालें तोंड देंवलें. तो ओगी रावलो. आपणाल्या पाड्या तोंडांतल्यान आयिल्लें उतर तिणें खरें केलें न्हय, अशें ताका दिसलें. हेवटेन कृष्णवेणीकडसून आकाक दर म्हयन्याक पयलींले भशेन बारा रुपय वचत आशिल्ले.

बी. ए. अभ्यास चलतालो. तागेली येणावळ तागेली गरज पूर्ण करपाक पुरो

जायनाशिल्ली. तो कोणाकडेनय पयशे मागपी न्हय. घरा पाविल्ल्या वेळार वणटींत आशिल्ल्या खणांतल्यान पयशे भायर पडचे नात म्हूण तो जाणा. जेवपाची एक अडचण ना. फी, पुस्तकां खातीर मात अडचण येताली. तरी पूण इश्टांगेर वचून तो पुस्तक वाचतालो आनी फी खातीर एक दोन कडेन संगीत शिकोवपाचें काम गळयाक बांदून घेवन अडचणेंतल्यान कशीय वाट काडटालो.

दुसऱ्या वर्सा मे रजेंत राम येतलो म्हूण वाट पळोवन पळोवन आवय बेजारली. "कितें? तांचे भशेनच करतलो काय हो चलो?" असो तिच्या मनांत दुबाव मारिल्लो आसतनाय, तशें बरोवपाक मन तयार जायनासतना ताणें बरयिल्लें कारण खरें अशें समजून "जायत पुता, तूं बी. ए. सोंपोवनच घरा यो." म्हूण तिणें ताका कागद बरयलें.

* * * *

हें मद्रासांतलें रामालें चवथें वर्स आशिल्लें. मायकलमास रजा आयल्या. बी. ए. चो हुसको रामाक लागिल्लो. मदीं मदीं एक दोग इश्टांगेर वचून तो अभ्यास करतालो. आपणाकडेन नाशिल्लें पुस्तक तांचे कडसून घेवन वाचतालो. हे रजेंत तो तागेलो सदांचो इश्ट राजमणी अय्यर हांगेर गेल्लो. राजमणी तेन्नाच उजवाडाक आयिल्लें संडरलेंडरालें "इंडिया इन् बाँडेज" हें पुस्तक वाचतालो. इतलें दाट पुस्तक पळोवन "कितें तें राजमणी?" म्हळें. "म्हाराया, हें पुस्तक रात फाल्या जामेरेन वाचून दिवपाक जाय. ते खातीर ताकतीक" ताणें म्हळें. रातभर तें राजमणी वाचतालो. अभ्यासाचें पुस्तक कुशीक दवरून रात फाल्या मेरेन वाचपाक ताणें घेतिल्लें पुस्तक कसलें तें समजून घेवपाची रामाक इत्सा जाली. हातांत घेवन पळयलें. दाट पुस्तक आशिल्लें तें. परदेशांतल्या एकट्यान आमगेल्या देशाविशीं बरयिल्लें पुस्तक "हूं, पळोवया. तुका तशी ताकतीक ना न्हय, हांवेंय एक दीस हें दवरून घेतल्यार लुकसान कितें जायत?" म्हूण पुस्तक ताणें खाक्यांत मारिल्लें पळोवन राजमणी गोंदळ्ळो. "राम, तें एक काम करनाका. ते बंदी घाल्लें पुस्तक. तें पळयलें जायत तर सरकार बंदखणीत घालतले आनी तुगेलें-म्हगेलें बी. ए. खंयच्यातरी गांवांत वो समुद्रा पॅलतडीं जातलें" म्हळें.

अशेंच नाका म्हळ्ळें जाल्यार रामाक तें वाचपाचें अशें तितलें दिसनाशिल्लें. पूण बंदी घाल्लें पुस्तक म्हूण कळ्ळे उपरांत तें वाचतलोंच म्हूण ताणें हट्टच धरलो. तें बशिल्ले कडेनच वाचून सोंपोवचें म्हूण ऱ्हेवजून राती दिवो पालोवच्या वेळारच वाचून सोंपयलें. निमणे राजमणीक पुस्तक दीत "दी, कोणाक दिवपाचें तें" म्हळें.

"कशें आसा?"

"कशें आसा म्हूण सांगूं? भायलो एकटो आमगेल्या देशाचे गुलागिरी खातीर इतलो अखंदेत आसतना आमकां मात त्या बंधनाचें कांयच ना अशें दिसप? बंदखणींत वाडपी वागापेट्या भशेन आमी बंदखणच आमगेले घर म्हूण समजुवप?" म्हळें. त्या दिसा साकून रामाले तकलेंत बी. ए. वांगडा भारतय नाचपाक लागलो. इश्टाकडेन उलयतना पॉलिटिक्साकय ताणें हात घालो. दर दिसाचें हिंदु नेमाळें 'अ' ते 'क्ष' मेरेन वाचतालो. ना म्हळयार तेन्नाच देशभर राष्ट्रीय चळवळ परतून पेटून धगधगताली. एकोणिसशें एकविसांतली असहकार चळवळ चलतना तो ल्हान आशिल्लो. तेन्ना शाळेंतल्या

भुरग्यांबरोबर "गांधीकी जय" म्हळें तो तेन्नाच विसरिल्लो. आतां तागेल्या जुवानपणाच्या सळसळपी रगतांत राश्ट्रभक्तीची खरसाणय एकवटिल्ली. आपूण पिरायेन जुवान आसतनाय फकत आपणालोच विचार करत राष्ट्राचे नदरेन कुड्डो जाला न्हय अशें ताका दिसपाक लागलें. मद्रासांत तिरुवल्लीक्केणी समुद्रा वेळेर सदांच व्हडा संख्येन लोक एकठांय येवन इंडिया सरकार आपणाल्या "इंकिलाब झिंदाबाद' उज्यान लासतले म्हूण आड्डुवपी दीस ते. होय देशभक्तीचो धग लागून थंय वचपाक लागलो. सत्यमूर्ती, प्रकाशम् ह्या देशभक्तांलें उलोवप आयकून ताज्या आंगांत आवेश येतालो.

ते वटेन गांधीली दांडी यात्रा सुरु जाल्ली. साबरमती ही भारताची दिल्ली जाल्ली. दांडी भारतांतले पानिपत जाल्लें. गांधीजी फाटल्यान शेकड्यांनी, हजारांनी, लक्षांनी लोकांनी सत्याग्रहाच्या नव्या झुजांत वांटो घेतलो. सत्य, अहिंसा आनी टकली हो मंत्र घेतलो. समुद्रातलें उदक घेवन मीठ करपाक लागले. मिठा सत्याग्रहान स दिसांतच स्वराज्य येतलें म्हूण राजमणी अय्यरान सांगलें. तितले बेगीन न्हय जालें तरी अख्खो भारत मिठाचो आगर जावन स्वतंत्रताय मळबावेल्यान देंवतली म्हळया भावावेशपूर्ण विचाराकडेन रामालें मन वचपाक लागलें.

सदांच तो कॉलेजांत उपन्यास आयकून येतालो. थंयसून नीट समुद्रा वेळेरच पावतालो. राजमणी भशेन पोकरी जावन, काळोक पडटकच सामुदायीक सभेंत वचनाशिल्लो. घरा येवन "हें कितें राजमणी, आमगेलो देश स्वतंत्र जावपाक जाय म्हळीं उतरां लिपून आयकुपाक जाय? संडरलँडासारक्याक उलोवपाक जाता तें आमकां, हांगच्या भुरग्यांक, उलोवपाक जायना?" म्हळें. राजमणी हांसत "रामा, तूं स्वतंत्र. आवयचेर तुगेलो अधिकार आसत; पूण म्हाका परिक्षेक पैसो भरपाक जाय जाल्यार बापायकडसून येवपाक जाय. घरा बायल-चोरडांय आसात. तांगेल्या पोटाचेर पांय येवपाक जायना न्हय?" म्हणटालो.

दुसऱ्या दिसा कॉलेजांतल्या जाळवणदारांनी विद्यार्थ्यांक आपोवन शिटकावणी दिल्ली. "राजकारण तुमगेलें शिक्षण पूर्ण जाले उपरांत करप, आतां न्हय. तुमगेल्या पांयार तुमी रावपाक शिकल्या उपरांत; तुमगेल्या शिक्षणाखातीर घरचे दंड भरतात तेन्ना न्हय. अशें आसूनय दर्या वेळेर जावपी सभेंत दिसत जाल्यार तांणी सिलेक्शन जावपाची आशा सोडपाक जाय" म्हळी भिरांतय घाली. त्या दिसा साकून राजमणीन 'हिंदू' नेमाळेंय घेवपाचें सोडलें.

ताजे कडसून स्फूर्त घेतिल्लो राम मात हे शिटकावणेन फाटीं सरलो ना. तागेल्या अध्यापकांनी सांगिल्लीं उतरां ताका चडच लागलीं. "कॉलेजा भायर आमी कितेंय केल्यार कोणाक विचारपाक जाता? आमगेलो आत्मो आमी कोणाक विकला तर?" म्हळो विचार ताका येतालो. तीन दिसां उपरांत ताका आदरणीय आशिल्ल्या तागेल्या एका मानादीक अध्यापक सायबानच ताका आपोवन "तुज्या सारख्या बुदवंत विद्यार्थ्यान ह्या राजकारणाचें पिशेपण पांगुरिल्लें पळोवन म्हाका अजाप जाता. मीठ करून केन्नाय स्वराज्य मेळत! आपलें मीठ करपी राश्ट्रां आज बंदखणीत नात तर...? पिश्या भशेन ही पिराय, ही सुविदाय व्हगडावन बसूं नाका. मुखार तूं व्हड जालो म्हण्टकच तुका तुगेल्या अणभवान जें दिसता तें तूं कर. आतां आसचो तो फकत आवेश मात" म्हूण सांगलें.

त्या अध्यापकाविशीं ताका आदरय आशिल्लो. ताणें सांगिल्लें 'न्हय' म्हणपाक जालें ना.

पूण "जायत" म्हणपाकय मन तयार जालें ना. "बरें, विचार करतां" म्हूण सांगून तो घरा आयलो. कांय दिसांत बी. ए परिक्षेक बसपाक जांकां मेळिळ्ळें तांचीं नांवां आयलीं. तांच्यांत रामालें नांव आशिल्लें. राजमणीय आशिल्लो. त्या उपरांत ताणें पॉलिटिक्सा कडेन लक्ष दिवप ना म्हूण थारायलें.

पूण क्रिसमस रजेवेळार सगळेंच वातावरण बदलिल्लें. सत्याग्रह म्हळयार बंदखणीची सुखा-यात्रा जावचे बदला, तकलेर लाठी घेवपाचो प्रसंग आयिल्लो. मिठा सत्याग्रह पळोवपाक गेल्लो राम भिवन घरा धांवत आयलो. ते रातीं ताका न्हीद लागना जाली. "हांव इतलो पोकरी जालों? बायलां आनी पोरां स्वतंत्रताये झुजांत मुखार वचत आसतना पोलिसाल्या माराक हांव असो भियेलों? राजमणींत आनी म्हज्यांत फरक कितें आसा तर?" ताका दिसलें. दुसऱ्या दिसा "कितेंय जावं, हांवूय सत्याग्रहाक वतलों" ताणें थारायलें. सरकारावेलो राग मनांत सळसळटालो तो उफेवन वयर आयलो. पूण ताणें ताका अहिंसेचें शांत रूप दिले आनी मीठ करतात थंय गेलो.

आदीं नांव जाणें दिल्लें ना ताणें येवचें न्हय अशें एका देशभक्तान सांगलें. आपणाक सत्यग्रहांत भाग घेवपाक जाय म्हूण यल करपांत एक दीस सगळो होगडावचो पडलो. दुसऱ्या दिसा कॉलेजाक वचपा वेळार, पुस्तक हातांत धरचे बदला मिठ ताणें हातांत धरलें. कितें जालें तें तोच नकळ! शंभरेक लोकां वांगडा ताणेंय "इंकिलाब जिंदाबाद" म्हूण आड्डवपाक सुरवात केल्ली आनी "महात्मा गांधीकी जय" म्हळें. जेन्ना तो सुद्धीर आयिल्लो तेन्ना तागेल्या मात्याक पट्टी बांदिल्ली आशिल्ली आनी तो आस्पत्रेंत न्हिदिल्लो. दोन दीस मेरेन तो घरा आयलो ना म्हूण कृष्णवेणी, माधव आनी तांगेलीं चोरडां विचारांत पडलीं. त्या दिसांनी भुरगींय सत्याग्रहाचे उमेदीन नाचतालीं. पोलिसाली टोपी दिसली रे दिसली, "महात्मा गांधीकी जय" म्हणटालीं. अशें करपांत माधवालीं भुरगींय फाटीं नाशिल्लीं. तींय सत्याग्रहाची खबर उलयतात तें आयकून "अरे, रामय सत्याग्रहाक गेलो काय?" म्हूण कृष्णवेणीन म्हळें. "छे राम! तो केन्नाच वचपाचो ना. ताणें अजून मेरेन तसलें उलयिल्लेंच ना" माधवान म्हळें.

रामाल्या विचारांतच तागेल्या मेजाकडेन पळय जाल्यार थंय माधवाक बरयिल्लें एक कागद आशिल्लें. "तुमकां सांगनासतना करतां ते म्हजे चुकेक भोगशियात. म्हजें मन देशाकडेन वतेर आसा. बी. ए. म्हणत आवयभुंयेची बंदखण पळयत रावप साध्य जावचें ना. आज सत्याग्रहाखातीर वतां. म्हजेविशीं कसलीच काळजी करनाकात" त्या कागदांत बरयिल्लें. ती रात सगळी माधवान कळवळयांत काडली.

"चल्यान ओगीच पिश्याभशेन केलें! जेवपा खावपाक आशिल्ल्यांक सत्याग्रह; पोटाक नाशिल्ल्याक तो कोणें सांगला?" तो बडबडत आशिल्लो. दुसऱ्या दीसा ऑफिसा कामाक रजा दिवन खंयचे आस्पत्रेत राम पडला आसतलो तें सोदपाक लागलो. सत्याग्रह खर जायत आशिल्ल्यान आस्पत्रेंत वचून पडले बगर बंदखणींत कोणच पावनाशिल्लो.

पूण आस्पत्रेंत वचून थंयची नांवांची पाटी पळोवपाक ताका भिरांत दिसताली. आपूण सत्याग्रह करतल्यांच्या नात्यांतलो अशें कळत म्हळ्ळी ताका भिरांत दिसताली. आपणाचेरच खंय तरी लचांड येत म्हूण तांका दिसतालें. वणत, खांबे, लाटणय सि. आय. डी. चें काम करतात म्हूण ज्यावेळार भंय दिसतालो त्या वेळार माधवाक तशी भिरांत दिसप अजापाचें

न्हय आशिल्लें. तरी हांगाथंय पळयत, कांय जाण उपचार घेत रांगेन न्हिदिल्ल्या एका सालांत गेलो. थंय चवकशी करीत, विचारीत रामाकडेनय पावलो. राम सवकास उठून बसलो. मारान तागेलें आंग तापिल्लें. सरकारावेल्या रागान मन तितलेंच तापिल्ले. "रामा, म्हाका एक उतरय कळयनासतना आयलो तूं?" म्हूण माधवान म्हळें.

"विचारल्यार तुमी जायत म्हणटले आशिल्ले?"

"ना, अशें तुगेल्या जिवार येवपी कामाक जायत म्हणपाक आमगेलें काळीज कशें तयार जायत?

"..."

"पुता, थंय तुगेले आवयक हें कळळयार तिजें कितें जायत हाजो तुवें विचार तरी केल्लो?"

रामान कसलीच जाप दिली ना. तागेल्या उत्साहाच्या भारार ताका आपणाले आवयली बाबडी मूर्त दोळयां मुखार दिशिल्ली काय ना कोण जाणा! तशी दिशिल्लीय जाल्यार राष्ट्रभक्तीचो उत्साह उणो करपा इतली शक्त तिज्यांत नाशिल्ली जायत. आतां ताका वेळ आशिल्लो. आंग दुखता आसतनाय तो विचार करपाक ताका साध्य आशिल्लें. तरी पूण तो उलयलो ना.

"पुता, रामा, सुमार जाले नंतर तरी घरा येतलो मरे?"

"पळयतां."

"तुवें चूक भोगशिल्यार तुका सोडटलेय. एक पटी तुगेलें बी. ए. सोंपयल्यार जायना? अभ्यास केल्याचें सार्थक कर. हे एक दोन म्हयने तूं एकटो ना जालो जायत तर स्वतंत्रताय मेळनासतना रावची ना."

"तुमकां देशाचेर जावपी अन्याय आनी आमच्या सारक्यांचेर सदां जावपी अन्याय कळना. मनीस फकत आपणालें पोट भरपाकच जगना."

ताजेकडेन उलोवपांत अर्थ ना अशें माधवाक दिसलें. पूण चार दीस वतेरेर, हूनसाण कमी जावन राम आपूणच वाटेर येतलो असो विचार करून तो घरा आयलो. चार दिसां उपरांत तो परतून ताका मेळपाक गेल्लो तेन्ना ताका बंदखणींत व्हेलो म्हूण सांगलें. बंदखणी सगळयो कैद्यांनी उपाट भरिल्ल्यो आसतनाच ताका स म्हयन्यांची खर शिक्षा दिवन वेल्लूरचे बंदखणींत व्हेल्लो.

कृष्णवेणी सामकीच भियेली. चलो परिक्षेचो अभ्यास करत आसा अशें समजल्ले रामाले आवयक कितें कळोवप? "तुमी लागीं आसतनाय ताका वचपाक दिलें?" म्हूण विचारल्यार जाप कितें दिवप? बरें, हें तिका कळय नासतना रावल्यारय समा जावचें ना असोय विचार आयलो. विचार करून, करून निमाणें एक दीस "रामालें अशें जालें" म्हूण तिका सविस्तर कागद बरयलें.

त्या दिसा नागवेणील्या मात्यार दुसरें जोगूल पडपाची गरज नाशिल्ली. राष्ट्रभक्तीच्यो काणयो तिणें आयकल्ल्यो. गांधीलें नांव ती जाणा आशिल्ली. तितलेंच कित्याक, तेन्नाच पोलिसांक भिनासतना कोडी गांवांतल्या पागप्यांनीय मीठ केल्लें. हेरांनी मतप्रदर्शन करपाक सत्याग्रह केल्लो जाल्यार तांचो पोटाखातीर अन्नाग्रह आशिल्लो. त्यो मजेदार काणयो आयकून मस्कऱ्यो करताले तें ती जाणा आशिल्ली. तरी पूण आपणालो पूत तातूंत पडलो

म्हूण तिका वायट दिसलें. ताका मार लागून धाय जाल्ली खबर वाचून तर ती सामकीच अस्वस्थ जाली. बी. ए. अभ्यासाची वाट लावन, फुडार होगडावन तो बंदखणींत गेल्लो. फाल्यां तसोच आवयलो विचार नासतना आपणाकडसून तो पयस जाल्यार आपणें कोणाकडेन सत्याग्रह करचो पडलो म्हळो विचार तिका सतावपाक लागलो. निमाणें तिणें आवयकडेन म्हळें. "आमा, म्हज्या पाड्या नशिबाक लागून कोणा कडसूनय म्हाका सूख म्हळें ना. हांवें कसलें तरी पाप केल्लें आसपाक जाय म्हूण ही दणदणा भोगतां! राम आनीं म्हाका कसलें सूख दितलो!" हो सामकोच तिजेर कठीण प्रसंग आशिल्लो. तिका हातुंतल्यान दुसरी वाटय मेकळी नाशिल्ली.

थंय राष्ट्रभक्त जाल्लो राम देशभक्तीन चडच पेटलो. वेल्लूरची बंदखण तेन्ना खादी घालतल्यांची सांन्त जाल्ली. सांन्तेत आसता तशी बेशिस्त आनी बोवाळ थंय! बोबो मारून जर स्वतंत्रताय मेळटा आसताली तर तांणी मारिल्ल्या "इंकिलाब झिंदाबाद" आनी "गांधीकी जय" हे बोबेनच धा पटी तरी स्वतंत्रताय हातांत येवन पडपाक जाय आशिल्ली. थंय वेगवेगळे गांवचे लोक पाविल्ले. अशीच बंदखण भरत गेल्यार एका वर्सा भितर ब्रिटनाचो गोबर जातलो अशें ते समजताले. सगळे जें म्हणटात तें रामाकय पटिल्लें.

आतां बंदखण भरून ओतपाक लागिल्ली. तांणी कैद्यांक दिवपाचें जेवण गरीब मानाय जेवतात ते परस बरें नाशिल्लें. बंदखणीतल्यांचो राग हाका लागून चडच जाल्लो. देखून "जेवणा खातीर संप" करपाची येवजण घाली. अधिकारी आयले. जरा बरें जेवण मेळपाची वेवस्था जाली. सत्याग्रहींतल्या एकट्याक रांदपाकडेन धाडलें.

संप करून संसाराकच आड घालपाक जाता अशें समजुवपी एक जुवान कम्युनिस्ट थंयच कार्ल मार्क्स, लेनिन आनी ट्रॉटस्की हांगेल्या तत्वगिन्यानाचो प्रचार करपाक लागलो. राम सानपणासाकून गरीबींत, कश्टान वाडिल्लो. ताका गांधी तत्त्वगिन्याना परस हेंच बरें दिसलें. पूण करतलो कितें? पाडी सत्य, अहिंसा मानपाक जाय! कांय जाण "स्वतंत्रताय मेळ मेरेन सत्याग्रह करया त्या उपरांत मात कम्युनिझम आनी समतावादच जाय" अशें म्हणटाले.

जुवानपणांत अभिमान आनी उत्साहाचेर आधारिल्ले विचार खर जाल्ले आसतात. मेकळया गळयांतल्यान ते सगळे तरेचे विचार भायर सरत आसतात. तसल्या त्या वातावरणांत रामाक समतोल राजकीय विचार करपाचें कशें साध्य जायत?

एक दीस बंदखणीचें कवड उगडें जालें. सत्याग्रह करतल्यांक धरून बेजारिल्ल्यांनीच तें उगडिल्लें. तांणी "तुमकां जाय थंय वचात" म्हळें. गांधी-आयर्विन कबलात जाल्ल्यान तशें घडिल्लें.

राम वेल्लूरच्या रस्त्यार येवन उबो रावलो. घालपाक ताजेकडेन दुसरें आंगाक नाशिल्लें. गांवांत वचपाक दुडू नाशिल्लो. खंयसून हाडिल्ले थंय पावोवपाची वेवस्थाय नाशिल्ली. निमाणें "सत्याग्रही" म्हळया तिकिटाचो आधार घेवन कांय नव्या इश्टां वांगडा वेल्लूरसाकून काट्पाडीक पावलो. मुखार खंय वचप? मद्रासाक काय मंगळूराक? दोनूय तिकीट नासतना प्रवास करपाक जाय. परिक्षा तर चुकिल्ली. तशें आसत तर मद्रासा वचून करप कितें? बंदखणींत आसतना ताका आवयली खूब याद जात्ताली. 'आमा कितें म्हणटली कोण जाणा!' म्हळी भिरांत भितरले भितर कोरायताली. तरी 'आवयक

मेळनासतना तीन वर्सां जाल्लीं. आतांय वचना जाल्यार कशें!'' म्हूण विचार केलो आनी मंगळूरचीच वाट धरली.

रेल्वे गाडयेंतय वादावाद चलत आशिल्लो. बंदखणीतल्यान आतांच भायर सरिल्ले राष्ट्रवीर चरखो फिरोवनच स्वतंत्रताय मेळटली म्हणटाले. गांधी म्हळ्ळो मारुती लंकेश्वरा परस उंचायेर बसून उलोवणीं करतालो. ब्रिटन म्हळ्ळया लंकेश्वराल्या राज्याक उजो लागिल्लो.सगळयांल्या मनांत यश मेळटलेंच म्हळ्ळी खर भावना दिसताली. पूण रामाक तें वर्णन ध्यानांत येनाशिल्लें. मारुती रामाक मेळटलो काय ना कोण जाणा; पूण ताणें मात फाल्यां आवयक मेळपाकच जाय आशिल्लें.

राम मंगळूरा येवन पावलो. ललितेगेर वचपाचें नाशिल्ल्यान हॉस्टेलांत गेलो. थंय नाका म्हळयार कोण सोडटा? मद्रासांतल्यान आयिल्ल्या देशभक्तान हॉस्टेलांत उलोवचेंच पडलें. राम आतां भाशणकार जालो! आदर्श आनी उत्साहपूर्ण उपन्यास ताणें दिलो. ''गरीब लोकांली सेवा करप हेंच आमगेलें ध्येय! भारताचें स्वातंत्र्यच आमचो निर्धार!''ताणें सांगलें. ''श्रीराम ऐताळकी जय'' म्हळ्ळी घोशणाय ताका गावली. तागेलें जुवानपण तकलेंत चडलें. सोपे तरेन आपूण व्हड मनीस जालो म्हुण खोसय जाली. ताका लागून आनेक दोन भाशणां करत त्याच गांवांत रावलो.

दुसऱ्या दिसा सदाशिवाक आपणालो भाचो आयला म्हळ्ळी खबर कळ्ळी. तो रामाक मेळपाक आयलो. ''रामा, आमगेर येवपच ना?'' म्हूण ताका घरा आपोवन घेवन गेलो. रामाली खबर ताका पयलींच कळिल्ली. घरांत ललिता सयत सगळयांनी ताका बरे तरेन वागयलें. ''हांगसून गांवांत काय आनी खंय वतलो?' तिणें रामाक विचारलें. तेन्ना रामाक परतून आवयली याद जाली. तांगेरसून राम नीट गांवाकच भायर सरलो.

माबुकळ आयलें तसो मोटारींतल्यान तो देंवलो. लागीं आशिल्ल्या सानाज्यागेर वचपाक लज दिसली. थंयसून नीट आपणागेरच वचपाक लागलो. गांव दिसपाक लागलो. तागेले पांय सावकास पडपाक लागले. न्हंयकडेन पावलो, तशे तागेले पांयच हालना जाले. तो कसोतरी पलतडेक पावलो. आपणालें आंगावेलें पळोवन ताका कशें तरी जालें. टोपी काडली आनी ताणें खिश्यांत घाली. कितें तरी शेणिल्ले सोदीत वतात ते भशेन शेता मेरेवेल्यान राम घरा वचपाक लागलो. बारीक पावस वेल्यान पडटालो. लागींच्या शेतांत बच्ची आपणाल्या पोरांक घेवन नण्णी काडटाली. धवें आंगाक घालून पावसांत भिजत येता तो कोण तें पळोवपाक तिणें मान वयर केली. ''कोण? सान धनी!'' अजापान तिणें म्हळें. रामान ''हय'' म्हळें.

''सानधनया, दोनतीन वर्सांमेरेन आवयक मेळनासतना रावप? पाप! तांचे भशेन तुमीय करप?'' काळजांतलो कळवळो तिणें उकतो केलो.

बच्चील्या उतरान बाणच मारिल्ले भशेन रामाक जालें. आपणें मद्रासा वचपा वेळार आवयन म्हळ्ळीं उतरां, आपणें आतां केल्लें कर्तूप, आपणालें शिक्षण ह्या सगळयाची याद जाली. कसलीच जाप दिवपाक ताका तोंड येना जावन ''आमा घरांत आसा?'' ताणें विचारलें.

''हय, पूण तुमगेले आजेक मात आंगाक बरें ना. तशें कांय ना. पिराय जाल्या न्हय'' म्हळें.

आतां रामाले पांय आडखळळे नात. सपसपीत तो घराकडेन चलपाक लागलो. राम आंगणांतल्यान नीट चौकेरच गेलो. पांय सुजिल्ल्यान आजी खांब्याक तेंकून थंय बशिल्ली. "रामा, आयलो पुता! नागू, तुगेलो पूत आयलो. हांवें सांगलें नाशिल्लें तुका?" म्हळें. पावसांतली लाकडां फुकिल्ल्यान सुजिल्ल्या आनी चुरचुरिल्ल्या दोळयांतल्यान उदक गळयत, घुसमटिल्ले भशेन जावन पुरो जाल्ली नागवेणी रांदचे कुडींतल्यान येत दोळया-पातीं पोरशीत "कितें म्हळें?" म्हूण विचारपाक लागली. मुखार रामच आशिल्लो! आनी कितें सांगतली?

"रामा, आयलो पुता! तुगेले चिंतेन हांव काडी जालें पुता. तुवें अशें करप मरे?" आवयन म्हळें. रामाक खोळशे भरून आयले.

"पुता, म्हाका कोण आसात म्हूण तूं सोडून गेलो?" तिणें परत विचारलें.

राम हुंदकेवन रडपाक लागलो. अशे तरेन राम खूब दिसांनी रडिल्लो. ते घटकेक आपूण 'व्हड गुन्यावकारी' असो ताका दिसलो. आवय आपूणच जावन मुखार आयली. "लागलें पुता, उलयिल्लें? रडनाका पुता, ओगी राव" म्हळें. "जेवलो?" काय विचारलें. "जेवलों ना" जाप आयली. हेर प्रस्नांक जाप आयली ना.

नागवेणी रांदन पेटोवपाक गेली. आवयक कसाय करपाक पेटयिल्ल्या उज्यारच पुता खातीर शीत केलें. आजेन रामाक लागीं आपोवन "पुता, म्हजे दीस लागीं पावल्यात अशें दिसता" म्हळें.

"तशें कित्याक म्हणटा? हांव वचून वखद हाडटां. उडुपी आस्पत्रेंत वखद मेळटलें. तूं बेगीं बरी जातली" म्हळें.

आजेन सांगलें तसो राम तळयार न्हावपाक गेलो. आंगावेल्या ओल्यार घरांत आयलो. "रामा, ओल्यारच कित्याक आयलो? दुसरे आंगाचे हाडले ना?" आजेन विचारलें. "सगळें सामान मद्रासांतच उरलें" ताणें जाप दिली. ताणें मागशी घरांत दवरिल्लीं एकदोन आंगाचीं ताका आवयन काडून दिलीं. तें न्हेसून तो जेवलो.

आवय पुताकडेन चड उलयली ना. कितें उलयतली? चल्याक मनांत वायट दिसलां म्हळळें तिका समजल्लें.खंयचे तरी वायट ग्रह लागून ताणें चूक केली म्हूण रडयल्यार लाब आसा? आंता तरी आवयली याद जावन आयलो न्हय, म्हूण समाधान मानल्यार जायना?

ते रातीं बरोच वेळ मेरेन आवय आनी पूत सावकास उलयतालीं. रामान "अशें सगळें जालें. मुखाल्लें वर्स बी. ए. सोंपोवन खंय तरी एक काम धरतां. तो वेळच तसो आयलो. हांव तुमकां सगळयांक विसरलों" ताणें सांगलें. आवयन सत्याग्रहाची खबर आयकली. आपणें लाठीचो मार खाल्लो, धरून बंदखणींतले समाराझे मेरेन घडिल्ली गजाल सांगून ताणें तिका खोस जावपा सारखें केलें. निमाणें आपण्याल्या चल्यान केल्लें काम वायट न्हय अशें तिका दिसलें. तिणें "पुता, हें गरिबांक सांगिल्लें न्हय. तुवें केल्लें काम बरेंच. पूण आज आसल्यार फाल्यां पोटाक ना असल्यांनी हें काम करचें?" म्हूण विचारलें. "मामान आनी मावशेनय अशेंच म्हळळें, पूण हांवेंच तांचें कानार घेतलें ना" रामान म्हळें.

दुसऱ्या दिसा राम कर्तव्याचे जाणविकायेन आपणाल्या सान आज्यागेर गेलो. थंय "आजेक बरें ना, कितें करूं?" म्हूण विचारलें. भायर सरतना वणटी खाचींतले म्हूण नागवेणीन तागेल्या हातार एक रुपया दवरिल्लो. देखून पयशे कोणाकडेनय घेवपाची ताका गरज नाशिल्ली. ऐरोडींत सान आज्यान तागेली बरीच मंगळारत केली! "तुमकां, भुरग्यांक,

पोशिल्ल्यांची वळख, तुमचे खातीर दोळ्या उदाक पितल्यांची वळख कितले बेगीं ना जाता!'' म्हूण तांणी म्हळें. रामान थंय परतून रडपाचो प्रसंग आयलो. आज्यान तावें उपरांत समाधान करचें पडलें.

थंयसून राम मोटारीर बसून उडुपी गेलो. डॉक्टराकडेन वचून आजेक वखद घेतलें. वकद घेतले उपरांत फकत चार आणेच उरले देखून मोटारीची वाट सोडून समुद्रा वेळेवेल्यान घरा वचपाक लागलो. येतना मध्यम पिरायेचे कांय जाण वाटेर मेळ्ळे. तांच्या वांगडा उलयत, हेर गांवांत जावपी सत्याग्रहाचें वर्णन करीत, तोन्से-कोडीची वाट धरली तांणी. ''ही पाडी शानभोगाची चाकरी आनी पोटा प्रस्न नाशिल्लो जाल्यार हांव मीठ करताशिल्लों!'' म्हूणय सांगलें. उपरांत तांगेल्या गांवांत पावपाचो वेळ आयलो. ''बरें येता'' तांणी म्हळें. इतल्यांत विसरिल्ले भशेन ''पळय मरे, इतलें सगळें उलोवन तुमगेलें घर खंय, तूं कोण बी कांयच विचारलें ना'' म्हूण म्हळें.

''हांव कोडीचो.''

''कोडी! कोडींत खंय.''

''राम ऐताळालो नातू हांव''

शानभोगान रामाक वयल्यान सकल मेरेन पळयलें. एकदम हांसून ''आरे राम्या, हांव कोण तो कळ्ळो तुका? तुगेली आजी आशिल्ली न्हय, ती म्हगेली भयण... आमगेले सत्यभामेलो नातू मरे तूं!'' म्हणत मादप्पय्याल्या चल्यान, जनार्धनमय्यान, ताका मडुमुन्नूराक ओडतच व्हेलो. आजेक बरें ना म्हूण सांगल्यारय सोडलें ना. निमाणें ''तुमी आमगेर येतात जाल्यार हांव तुमगेर येतां'' म्हूण रामान तांका सांगलें.

आपणागेर व्हरतना वाटेर तांणी ''नागवेणी आनी लच्चा लग्न जाले उपरांत आमगेर पावल्यांत. मागीर तागेले दुर्बुद्धीक लागून तुमगेलें कोणालेंय तोंड पळोवपाचो योग आमकां ना जालो'' म्हळें. रामाली पडुमुन्नूरांत बरीच सरबराय जाली. शानभोग आपणाले बायलेकडेन ''हो म्हजो नातू'' म्हूण सांगून खुशालभरीत जालो. आज्यागेरची सरबराय खरी, खोशीय खरी, पूण रामालें मन मात अस्वस्थ जाल्लें.-आजी थंय वळवळत आसतना आपणें मात हांगा भूस मारत रावप कशें म्हूण दिसतलें. शानभोगान जेवन घेतलें. ''जायत पुता, तुगेलो बापूय आसतना तुमगेल्या घरांत गेल्लों. त्या उपरांत पांय दवरलो ना. काम कसलें सांग? तुगेलो बापूय आवयचो बारावो कोणागेर तरी करतलो म्हूण कळिल्ल्यान ताकाय वचनासतना रावचें पडलें. तुका लागून म्हाकाय कोडीचें दर्शन जातलें'' म्हूण ते तागेलो हात धरून भायर सरले.

तोन्सेसाकून मुखार चमकत वचपाचो ताजो विचार तसोच उरलो. शानभोगान व्हडेकाराक एकट्याक आपोवन ''कोडीक व्हडें सोड पळोवया'' म्हळें. तांणी नाका म्हळें तरी दोन शिंयाळीं ताका माडावेल्यान काडून दिलींच. जेविल्ल्या पोटार शिंयाळ्या उदाक पिवचें पडलें. शानभोगान रामाकडेन उलयत कोडी मेरेनचो प्रवास केलो.

हे दोगूय येतात तें आंगणांत रावन दोळ्यां मुखार हात धरून नागवेणी पळयत आसतना रामान ''आमा, हे कोण तें सांगशी?'' म्हळें, तेन्ना नागवेणीक आपणाल्या सानपणांत पडुमुन्नूराक व्हड्यार बसून गेल्ली याद जाली. ''ते न्हय!'' तिणें म्हळें.

''ते म्हळयार?''

"तुगेले आजेगेरचे न्हय?" म्हळें.

उपरांत म्हातारेन खंयचें खंयचें वखद धेवचें तें सांगून, पथ्य बिथ्य बी सांगलें. डॉक्टरान "भिवची गरज ना" म्हूण सांगिल्ले कळयलें. "वखद हाडपाक जाय जाल्यार दोन दोन दिसांनी आमगेल्या उग्राणीक धाडल्यार जाता" शानभोगान म्हळें.

ते रातीं जेवण जाले, नंतर शानभोगान राम ऐताळाल्या लग्नासाकून लद्दा ना जाल्लो तेन्ना मेरेनची गजाल रामाक सांगली.

○

26

रामाचेर एक वर्सभर वनवास भोगचो प्रसंग आयलो. बी. ए. कांय करपाक जायनाशिल्लें. आतां ऑगस्ट म्हयनो चलता. कॉलेजांत मुखाल्ल्या वर्सा वचपाचें. थंय परतून अभ्यास करपाक जाय. आदल्या वर्सा अभ्यास करून 'सिलेक्शन' मेळिल्लेंय फुकट गेल्लें. कशेंय हें वर्स घरांतच काडचें पडटलें. एके वटेन आजेली सेवा करची आसा. नोकरी मेळना जायत तर आवयकडसून पयस रावचें न्हय म्हळी इत्साय आसा. शिवाय विस्रांती घेत आशिल्ल्या व्हायोलीनाक वेळ मेळटा तेन्ना परतून वाजोवचें आसा. हें सगळें करूनय पुरो जायना अशें दिसून दर दिसा हंगारकट्टे बंदरा मेरेन वचून येवपाची संवय दवरल्या. थंय कोण तरी एकटो 'हिंदू' दिसाळें घेतालो. त्या सावकारान दिल्ल्या वेळार तें घेवन उत्सुकतायेन खबरो वाचपाची संवय ताका जाल्या.

दर दिसा तो दिसाळें वाचतालो. मुखार आशिल्ल्याकडेन 'हातोडो कोयतो' तत्त्वाचेर भासाभास करतालो. आमगेल्या लोकांलें गरीबपण, हरिजन प्रस्न, सूत काडपाचो विचार, राष्ट्राची उदरगत, ग्रामोद्धार ह्या गजालींचेर उलोवपां जातालीं. तागेले पिरायेचो एक शाळे मास्तर, गांवांतले अर्द शिक्षण घेवन बेकार आशिल्ले तरनाटे, हे तागेल्या चर्चा सत्राचे वांगडी आशिल्ले. तकली ताप मेरेन तांच्यांत सदांच चर्चा जाताली. निमाणें कोणें तरी म्हळें- "हयरे, गांधीजीन तोंडान भाशणां दिवपाक सांगलें ना! सोऱ्या आड रावात, सूत काडात, गांवांतली निवळसाण सांबाळात म्हूण सांगलां. पूण कोणेंय कांय करी नासतना फकत तोंडान गांधीकी जय म्हणत राविल्ल्यान तांगेली चळवळ आज दुबळी जाल्या"म्हळें. रामान चोंयवटेन पळयलें. ते उतर ताकाच म्हणिल्ले भशेन आशिल्लें. ते सांगणें न्हय म्हण सारकेय नाशिल्ले. अशें जाल्ल्यान "तुमी म्हणटात तें खरें. आमी उलोवचें चड, करचें उणें. म्हाकाय आतां धा म्हयने मेरेन मोकळीक आसा. कितें करचें ते सांगात?" रामान म्हळें.

"कितें करचें म्हळयार एक काँग्रेसचें ऑफिस काडचें. त्या उपरांत चरखा संघ, टकली वांगडा, खादी घालप..." म्हळी जाप आयली.

तेन्नाच एक चरखा संघ थंयच तयार जालो. दुसऱ्या दिस काँग्रेस कमिटीचीय थापणूक जाली. एका रिकाम्या घराचे माळयेर बोर्डय लावन जालो. उडुपी साकून चार डझन टकल्यो हाडून वांटूनय जाल्यो.

एक दीस गांवा येतना सांजे वेळार शेता मेरेवेल्यान टकलीचें सूत काडीत राम येता तें पळोवन बच्ची "धनया, हें कितें! तुमीय जाळें करतात?" म्हूण म्हणत हांसली. "कितें म्हळें?" अर्दवट आयकल्लीं उतरां परतून समा आयकुपाक जाय म्हळळे इत्सेन रामान विचारलें. "अशें सूत काडपाचें काम आमकां मोगेरांक. सणाचें सूत काडून, विणून जाळें करपाक...' तिणे म्हळें. रामान हांसत "पिशी तूं, हांवें सांगिल्लें तुका कशें कळत?"

म्हळें आनी घरा आयलो.

टकली नवीच हाडिल्ली न्हय? रातीं मिणी मिणी दिव्या मुखारय ती फिरत आशिल्ली. आवयन तें पळोवन "रामा, हें कितें?" म्हूण विचारलें. "सूत कित्याक काडप?" "आमकां घरात सगळयांक कपड्याक लागता तितलें सूत हांव गॅरंटीन काडटलों" रामान जाप दिली. तागेली आवय हांसली. "पुता, रावणाल्या पोटाक पावाण्याचें ताक! हाणें सूत काडून आमगेली आंगाची मर्यादा राखपाक जायत जाल्यार दुकळ म्हळळो येत तरी?" तिणें म्हळें. रामान तिका टकलेचें तत्त्व गिन्यान सांगलें. "गांधीजीन हातुंतल्यानच स्वतंत्रताय मेळटली म्हळां" म्हूणय सांगलें. आवयन "कसलो गांधी, कसली स्वतंत्रताय! तुगेल्या आज्यान जानव्याखातीर सूत काडून पुता कडसूनय स्वतंत्रताय मेळनासतना मरचें पडलें. तांणी जानव्या सूत काडची टकली, तूं ल्हान आसतना, हांवें गिर्गिट करून खेळपाक दिल्ली. आतां तूं सूत काडून उद्धार करचो आसा?" म्हूण म्हळें. रामान ताजेर देड वरमेरेन आवयक भाशण दिलें. निमाणें "आमा, बेजार तरी काडपाक जाता न्हय हाज्यान?" म्हळें. "बेजार काडपाक पिटील ना तर तुका?" तिणें परतून सांगले.

दीस सोंपले. रामालें सूत काडचें काम तशेंच उत्साहान चलतालें. फकत धा दिसांतच संघाच्या सगळया वांगड्यांनी मेळून दोन रात सूत काडलें. तें उडुपी व्हरून विणपाक दिलें. "टकली म्हळयार यश' म्हणत ते खुशालभरीत जाले. मुखाल्ली कार्यावळ कितें? ताजेर त्या उपरांतच्या कॉँग्रेस कमिटींत भासाभास जाली. हरिजन सेवा करप, खादी विकप, सोऱ्या आड झुजप, सगळेंच करचें अशें थारायलें. नागण्ण मास्तर रामा वांगडाच अभिमानान काम करतालो. ताणें "रामण्णा, हे पाडे शाळेंतली मास्तरकी न्हय जाल्यार हांवय कॉँग्रेस वांगडी जातालों..." म्हळें.

"आतां वांगडी जावपाक कितें?"

"पयलींच आमगेल्या बोर्डा अध्यक्षाचो म्हजेर दोळो. फाल्यां म्हाका सोमतेच हेब्री, मुद्राडी बी असले कडेन बदली केल्यार जोरा-पिडा लावन घेवची पडटली."

"तुमच्यानी आनी कसलें काम जायत?"

"सोऱ्या आड काम करपाक लिपचोरयां तुमच्या वांगडा जाल्यार येतां" तांणी म्हळें.

मुखाल्ल्या सुक्रारा बारकूरांत सान्ते बाजार भरता. सोमार दिसा कोटांत सान्ते बाजार आसा. दोनूय कडेन मेळून उण्यात उणे पांचशें कॉँग्रेस वांगडी करचे अशें तांणी थारायलें. सान्तेबाजारात रावन रामान आनी तागेल्या वांगड्यांनी बरीं उलोवपां केलीं. भाशण करच्या वेळारय टकलींतल्यान सूत भायर सरत आशिल्लें. उपरांत वांगडी करपाची पटी भायर काडली. "सगळे जाण कॉँग्रेसीचे वांगडी जायात" म्हळें. सगळे जाण 'हांव फुडें, तूं फुडें' करत निशाणी घालपाक आयले. रामान "आतां दस्कत घाल्ल्यान वर्साची फकत चार आणे पटी दिल्यार जालें" म्हळें.

"चाराणे! चार आण्याक दोन परकाळे मेळटात" एकट्यान म्हळें.

"चार आणे कॉँग्रेसच आमकां दितली अशें म्हाका दिशिल्लें" दुसऱ्यान म्हळें.

"चार आणे दिल्यार दोन शिद्दी खोबरेल मेळटा, दोन बाटल्यो चिमणेल मेळटा" म्हळें आनी कांय जाणांनी.

त्या दिसा फकत स जाण कॉँग्रेस वांगडी करून ल्हान तोंडान राम घरा गेलो.

दुसऱ्या सप्तकांत सान्ते बाजारांत खादी विकली. खेड्यांतल्यांनी खादीचें मोल आयकूनच "गांधी कपडे सवाय आसात म्हूण केल्ले. पूण हें पळयल्यार कोणालेंय घर काडची खबर" म्हळें. रामाक संताप आयलो. "तुमी भायले कपडे विकत घेतल्यार, तो पयसो सगळो देशा भायर वचून तुमगेल्या गांवच्यांनी उपाशीं पडची पाळी येतली. तशें करनासतना हें घेतल्यार सगळो पैसो तुमगेल्या गांवच्या गरिबांक मेळटलो" ताणें सांगलें.

"हूं, तें खरें आसत. पूण म्हाका कितें बापायन गांठ दवरिल्ली आसा? दोन आण्याक एक परकाळो मेळता आसतना चार हातांचो खरखरीत वालो बारा आण्यान घेवपाक?" म्हळळी जाप आयली.

"हयरे, हें घेवन पैशे सगळे व्होगडावन आमीच परदेशी जाल्यार?" आनेकट्यान म्हळें.

निमाणें काकुळटेक लागून, मुलाजो जावन एक दोग जाणांनी खादी कपडे घेतले नागण्णान घरांत तरी न्हेसपाक जायत अशें दिसून दोन खादी वाले घेतले. तेय "उधार" घेतिल्ले म्हूण वेगळें सांगपाची गरज ना. मुखाल्लें वर्स मेरेन आणो अर्दाणो करत ते पैशे वसूल करचे पडले.

तीन म्हयने भितर रामाल्या कॉंग्रेस ऑफिसांत येवपी सभासद उणे जायत गेले. टकल्योय दिसना जाल्यो. कोणेंय सोडलें तरी आपणें तें सोडचें न्हय म्हूण राम मात हट्टानच रावलो. मुखार आपणाल्या कार्यदर्शी जाग्याचो राजीनामो दिलो. आतां कितें करप म्हळळया विचारात बरेच दीस सोंपले. निमाणें आपणाल्या गांवांत 'प्रोहिबिशन' बी करचें असो ताणें विचार केलो. आपणाक वेळ मेळटा तेन्ना घराघरांत वचून संघटनेचो वावर करचो म्हूणय ताणें थारायलें. तागेल्या प्रचाराचें पयलें घर म्हळयार बच्चीलें घर आशिल्लें. "धनया, कित्याक आयल्यात तुमी?" बच्चील्या घोवान विचारलें. रामान तोंड गंभीर करत "हें पळय, तुमकां रांपणकारांक एक गजाल सांगपाक जाय अशें दिसता... तुवें सगळयांक एक कडेन सभेक आपोवपाक जाय. तुमचे रांपणकार सोरो बिरो पिवन सरकाराक कितले पयशे भरतात तुका खबर आसा?" म्हळें.

"रांपणेक बरें नुस्तें पडिल्ल्या दिसा, एकाच दिसा पन्नास रुपयांचो सोरो पिल्यारय पिवन सरता!" जाप आयली. रामान ताजे कडेन अर्थशास्त्र सविस्तर करून सांगत "तुमी सगळयांनी पिवचे नात अशी आण घेवपाक जाय" म्हूणय सांगलें. काळाक तें सगळें खरें अशें दिसलें. बच्चीनय "धनया, हें तुमी जाय जाल्यार शंभर पटीं सांगात" म्हळें. "रांपणकारांक अशेंच आपयल्यार ते येवचे नात. मुखाल्ल्या सोमारा कोडीचे रांपणकार अमरदेवा देवळा सामखार यक्षगान खेळ करोवपाचे आसात. थंय तुमी गेवन 'लेक्चर' दियात. तेन्ना तुमगेले विचार तांकां समा दिसतले. देवा देवळा मुखारच सगळयां कडसून आण घेवपाची! ह्या मोगेर पोरांनी मनांत घेतल्यार तांकां कसलेंच कठीण न्हय" काळान आपणाल्या धनयाक समाधान जातलें अशें उलोवन घरा धाडलें.

दुसऱ्या सप्तकांत अमरदेवा देवळा सामखार सांगून घेतिल्ले तीन तीन यक्षगान खेळ जाले. कोडी रांपणकारालो, पडुकेरे रांपणकारालो आनी मण्णूर रांपणकारालो अशे तरेन तिगांचे तीन दशावतार जाले. निमाण्या दिसा दोन खेळ आशिल्ले. मारनकट्टे आनी पंदर्ती मेळांची सर्त आशिल्ली. मागशीं पळयिल्ल्या यक्षगान खेळाची रामाक तशीं बरी याद

नाशिल्ली. आतां ताका दशावतार खेळ पळोवपाची उमळशीक लागिल्ली. होच वेळ बरो अशें ताणें थारायलें. त्याच दिसा हंगारकट्टेचें वांगड्यांक मेळून भासाभास केली. राम तांगेलो मुखेल जालो. खेळा वाठारांत लावपाचे बोर्ड तयार जाले. "सोरो म्हळळया कंसासुराक मारून उडयात!" "मद्य वर्ज्य करात!" असल्यो उतरावळयो तयार केल्यो. फाटल्या काळांत शाळेंतल्या वणटींचेर उतरावळयो बरोवन चुनो लावपाचो खर्च उणो करताले, तशें खेळा रंगभूयेक हांगेल्या बोर्डानीं सोबाय दिली.

पयल्या दिसा मंदर्ती मेळाचो खेळ जालो. मंदर्ती मेळांतलो नामनेचो हास्यगार वेंकप्पा सुब्बी आत्यालो मुंडकार आशिल्लो. राम ऐताळाल्या नातवाल्या लेक्वराक ताणेंय प्रोत्साहन दिलें. दशावतार पळयत राम खोस भोगत आसतना खेळांतलो मारुतीचो वेश घालून वेंकप्पा आयलो. ताणे "हें पळयात, आतां यादव कुलांतले सोरो पिवन वाटेक लागल्यात. कृष्णा, तांगेलो उद्धार करपाक कोणाक तरी धाडून दी" म्हणत हास्यपीठिकेन रामाल्या भाशणाक जाय तशें वातावरण तयार केलें. तेन्ना एक वर मेरेन तीग देशभक्तांनी रंगभुंयेर येवन भाशण केलें. तांगेलो आवेश, निर्धार आनी उलोवपाची तरा पळोवन गांवच्या लोकांक अजाप जालें. राम उलोवपाक रावलो. ताका कसलेंच भान उरलें ना! ताणें उलोवन जालें तशें हास्यगारान तागेल्या गळयांत फुलामाळ घाली. लोकांनी जोरांत ताळयो मारल्यो. कलियुगांत पयलेच खेपे "गांधीकी जय" म्हळळो आवाज त्या आवाऱ्यांत हुंवाऱ्यांभशेन घुंवलो.

बच्चीलो घोव काळ बशिल्ले कडसून उठून, पाना कवळ खायत "तें बरें आसा. लेक्वर आयकून तुमी 'जै' म्हणचेंय योग्यच जालें. पूण धनी म्हणटात तशें सांगचें- 'मोगेरांनों, सोरो बिरो पिवपाचो सोडपाक जाय' म्हूण. ताजें कितें करतात?" म्हळें. उपरांत ताणे "हांव हांगाच आण घेतां. हाजे मुखार हांव तो घेवचो ना म्हूण." तें आयकतकच रांपणकारांतल्या कांय बुदवंतांकय उमेद आयली. "आमी कितें मडीं तर? गांधीन सांगलें म्हणटकीर आमी तांचे परस व्हड तर!" तांणी म्हळें आनी शंभर दोनशीं लोकांनी त्या दिसा सोरो पिवपाचें सोडटां म्हूण आण घेतली.

दुसऱ्या दिसा पडुकेरे रांपणकारांची पाळी आयली. तेवूंय आण घेवपाक फाटीं उरलें नात. तिसऱ्या दिसा पितल्यांचें आगर म्हण्टात ते गांवचे मुण्णूरकारय मुखार आयले. त्या दिसा दुट्टो यक्षगान खेळ! खेळा आवेश आनी सोरो सोडपाचे सर्तींत उणे पडचे न्हय अशें दिसून मद्यपान त्यागाचो दबाज्यान सुवाळो जालो.

खेळ सोंपोवन घरा वतना काळ, तौड, गौळी, गोविंद हांणी आपणाली आण सार्थक करपाक समुद्रा वेळेर सिद्दु पूजारील्या माडांक बांदिल्ल्यो सगळयो मडक्यो फातर मारून फोडल्यो. त्या दिसा सांजे तागेल्या सोऱ्या गादयेर वचून ताणें हाडिल्ले सोऱ्या कळशे सगळे न्हंयेंतल्या मिठा उदकांत ओतले.सिद्दु पुजारी काचाबूल जालो. ते रातींच धांवन वचून ताणे ब्रह्मावर पोलीस ठाण्यार तक्रार दिली.

ते रातीं साकून तांबडे फेटे घाल्ले पोलीस तांगेल्या आनी भोंवतणच्या गांवांत भोंवले. गांवांत वता थंय लोक फुतफुतपाक लागले. हंगारकट्टे कॉंग्रेसीक उमेद येवन दिसाक चार चार सभा जावपाक लागल्यो. त्या वेळार आमगेलो नागण्ण मास्तर खादी घालपी मनशाल्या वासाकय उबो रावलो ना म्हळळें वेगळें सांगपाक जाय अशें ना. कितेंय जावं,

रामाक मात आपणें म्हान काम केलें आनी अस्तमतेचे दर्यदिगेवेल्या गांवांतल्यान सोऱ्या राक्षसाक ना केलो म्हळ्ळो अभिमान दिसलो.

तांगेल्या गांवांत पोलीस जाय ते पटी येवन गेले. जे दिसले त्या दोगचार जाणांक भिसडायले. सिद्दु पुजारीन फुडाराचो विचार करून अमक्यानच आपणाली लुकसान केली अशें नांव घेवन सांगपाचें धैर्य केलें ना. हे घडणुकेक लागून तागेलो उणो जाल्लो व्यापार वाडलो तर नाच, उलट गिरायक नाशिल्ल्या तागेल्या सोऱ्याक फुकट गिरायक मात मेळ्ळें. पगडेकारांक सोऱ्या सरबराय करत पुरो जाल्लो तो तोंड धांपून ओगीच पडलो.

विलायतेंत "रौंड टेबल" बसका जावची थारावणी जाली. आतां गांधीजी ब्रिटीश सरकाराकडसून झोंपय मारून स्वतंत्रताय हाडटलोच अशें आमगेल्या तरनाट्यांक दिसतालें. "एक पटी स्वतंत्रताय मेळ्ळी रे मेळ्ळी, दुसऱ्या दिसा साकून कोयतो हातोडो आमगेलें ध्येय" रामान थारायिल्ले. पूण गोल बसकेक लागून राष्ट्रीय चळवळ गुटलावपाचो प्रसंग आयलो. महाप्रळय करपाक भायर सरिल्ली सत्याग्रह चळवळ थंड जायत आयली. हांगा एकटो, थंय एकटो अशे कांय जाण मात टकल्यो फिरयताले. प्रभातफेरीत म्हणपाचीं पदांय आयकूंक येना जालीं.

पूण रामाक मात गांवांत एक काम फाव तशें मेळ्ळें. गरीब लोकांल्या फाटीक रावपाक आपूण सदांच तयार अशें ताणे सांगपाक आनी कोडींत एक 'मिठा' प्रकरण उप्रासपाक सारकीच गांठ पडली. "कोण तरी सेंक मरकाल काय कितें तरी ताजें नांव खंय, ताणें मीठ करून विकलें म्हूण ताजेर खटलो घाला" म्हळ्ळी खबर हंगारकट्टे कॉंग्रेस ऑफिसांत पावली. पूण दुसऱ्या दिसा त्या खटल्यांत सेंकुलें नांव नाशिल्लें. चवकशी केल्या उपरांत तोन्सेच्या पुट्टु मोगेर म्हळ्ळयान मीठ केल्लें खरें, पूण ताणें तें विकिल्लें म्हळ्ळें फट. पोलीस एक दोन साक्षी तयार करून ताजेर खटलो घालतात म्हळ्ळी खबर मेळ्ळी. ती खबर आयकतकच राम अभिमन्यु भशेन "आमा, एक पटी तोन्से वचून आयले बगर निर्वाय ना" म्हणत वाडिल्लें पान तशेंच सोडून, पुट्टु मोगेराली चवकशी करत गेलो. ताणें दोळ्यांत एक सारकें उदाक गळयत "म्हाका माल्लें, बडयलें, अशें अशें केलें" म्हूण सगळी खबर सांगली. आधार नाशिल्ल्या पुट्टाक आधार दिवपाक रामान हात मुखार केलो.

हंगारकट्टेंत व्हड घरांतल्या ऑफिसांत एक महासभा चोरलिपयां भरली. तांणी जाय त्यो थारावण्यो घेतल्यो. "गांधीजीक कागद बरोवया" म्हळें. "कलेक्टराक अर्ज घालया" म्हळें. कितें केलें तें नकळ, पूण मे म्हयन्याच्या निमाण्या सप्तकांत, राम मद्रासा वचपाचो विचार करता आसतना, पुट्टाक घेवन पोलीस रामागेरच आयले. पुट्टान रामाकडेन बोट दाखोवन "हें पळयात, हांकां हांवें एकच एक कळसो मीठ विकिल्लें" म्हळें. रामालो आवरोच उडिल्ले भशेन जालो. आपूण पुट्टाक सोडोवपाक गेल्लों. आतां तोच पुट्टो तोंड घेवन हांवेंच मीठ घेतलें म्हूण सांगता म्हळ्ळें प्रत्यक्ष आयकून रामाक अजाप जालें. पोलिसान रामाक भंय घालत "तुमचेर खटलो घालतले" म्हळें. रामान "हांव बंदखण अणभविल्लों मनीस, तुमगेलें सरकार फटींचेर आधारिल्लें" म्हूण जाप दिली. जालें; राजद्रोह, आनी अबकारी खटलो दोनय ताजेर घाले. ही खबर पड्डुमुन्नूर शानभोगाक पावन तांणी ह्या प्रकरणार उदाक ओतना जाल्यार, उजो पेटून रामालो बी. ए अभ्यास

थंयच उरता आशिल्लो. शानभोगान घरा येवन ''रामा, आमगेल्या गांवांतल्यांची पाडी दानत तुका खबर ना. तूं ताका आधार दिवपाक गेल्यार तोच तुजेर उलटलो न्हय! तुका अणभव ना. परोपकार म्हळ्ळो ह्या कलियुगांत न्हय'' म्हळ्ळो विचार सांगलो.

रामाले उपाट देशभक्तीक, पुट्टाले घातकी करणेन, व्हड आघात बसलो. ''पाडपडूं! असल्या लोकांक आधार दिवचे परस उदकांत जीव दिल्लो बरो'' अशें ताका दिसलें.

सप्तकभर ताणें हंगारकट्टेचें तोंडच पळयलें ना. उलट ''आमा, मद्रासा वचून बी. ए करून मुखाल्ली वाट पळयतां'' म्हळें. रामालें पिशें सुटिल्लें पळोवन आवयक खोस जाली. ''पुता, वचे पयलीं सुब्बीगेर वचून यो. तें कशें आसा कोण जाणा! फाटले खेपे तेंच आयिल्लें. हे पटी तुवें येवन णव म्हयने जाले तरी आयलें ना. तूं चवकशी करून यो'' म्हळें. राम एकटोच मंदर्ती गेलो. थंय तीन दीस रावन आत्याक मनाक समाधान जाल्लें पळोवन तो घरा आयलो. त्या वेळार ताजे मुखार घरांत एक आनी गांवांत एक अशीं दोन संकटां उबी जाल्लीं.

घरांतले संकट सामकेंच दुकदिणें आशिल्लें. तागेले आजेन परतून हातुळण धरिल्लें. नारायणमय्यान येवन ''बरें दिसना. होनी आंता तग धरची ना!'' म्हळ्ळो दुबाव परगटायलो. ह्याच वेळार गांवाचेर आयिल्लें संकट म्हळयार दंगो. तांगेल्या गांवांतले रांपणकार भरपूर पिवन तें मात्याक चडिल्ल्यान मारामारी करून पोलीसांल्या हातांत पडिल्ले! तेंय रामान सोऱ्या राक्षसाचेर दिग्विजय मेळयिल्ल्या स म्हयन्यांतच! ताजो विचार करतना रामाली तकलीच चलना जाली. घरांतलो विचार करतना मन दुकांनी भरलें.

दोन दिसांत कृष्णीकय तार गेली. सदाशीव आनी तागेलो भाव मंगळूरसाकून धांवत आयले. सगळयांनी आवयली सेवा केली. न्हंये पलतडीं वचून वखद हाडपाक त्रास जाता म्हूण निमाणें तिका ऐरोडींतल्या घरांत व्हेलें. रामय थंय वचून आजेक राखत बसलो. ताणेंच उडपी वचून धांवपळ करून वखद हाडून दिलें. नागवेणी म्हणटा तशें ''मरणाक वखद आसता?'' म्हळें खरें जालें. म्हातारी परत हेवटेन आयली ना.

आजेलें मरणाचें सुतक जाल्लें तशें रामा आवयक, ''आमा, तूं कितें करता? हांव मद्रासा वतलों. तूं गांवांत एकटीच रावतली! आजेक मेळचे पयशे आतां येवचे नात. आमी दीस कशे काडप?'' म्हळें. तो विचारांत पडलो. नारायणमय्यान ''हांगाच रावल्यार जायना?'' म्हळयारय ती कोडीकच आयली. रामान ''खरोच हांव बी. ए. सोंपोवन येतां. त्या उपरांत खंय तरी एक काम पळोवन तुका बरोबर घेवन वतां'' म्हळें. कृष्णवेणीन भयणीक मद्रासा यो म्हळें तरी तिणें आयकलें ना. तिज्या वांगडा राम मात मद्रासा गेलो.

जुलय म्हयन्यांतल्या खर वतांत राम परतुन तिरुवल्लीक्केणी समुद्रा वेळेवेलो सोयरो जालो. सोडिल्लो अभ्यास परतून सुरू जालो. तागेलीं पुस्तकां बदलिल्लीं. ताणें बरोच त्रास करून अभ्यास करपाक जाय आशिल्लो. ना म्हळें तरी पयशे मेळोवप आनी अभ्यास करप दोनूय वांगडा करपाचें त्रासाचेंच आशिल्लें.

आयिल्लोच ताणें शिकपी कोणय मेळटात काय म्हूण सोदून पळयलें. मागशीं पांच स घरांची वळख जाल्ली खरी. पूण हे पटी मात ताका खंयच संद मेळळी ना. ताणें संगीत शिकोवपी घरांय दुसऱ्या वांट्याक गेल्लीं. तागेली आशिल्ली एकच शिष्या म्हळयार

कृष्णवेणीली चली. चवदा वर्सां पिरायेची ती संगीत शिकपाक लागिल्ली खरी. पूण तितल्यात तो सत्याग्रह करून बंदखणींत गेल्लो. माधवान दुसऱ्याक सांगून तिगेलें शिकप मुखार चलयिल्लें. "कितें, ह्या वर्सा शिकोवपाक जमतलें? तुगेलें बी. ए. आसा. तुगेल्या अभ्यासाक अडचण करून ताका शिकोवपाक जाय अशें ना" माधवान आपणें जावन सांगलें. रामाक फकत आपणालो सुवार्थ पळोवप म्हळयार बरें दिसलें ना. आतां तर तो तांगेल्या रिणांतच पडला. ह्या वर्सा जेवणाचे पयशे दिवपाकय जमचें ना. अशें आसतना संगीतय शिकयना जाल्यार...? तो आयलो देखून घरांतल्या चोरडांकय खोस जाल्ली.

"रामण्णा, तूं घरांत नाशिल्लो तेन्ना घरांत सगलो बेजारच येतालो" आनंद म्हणटालो. "रामण्णा, तूं शिकयत। तसो कोणच संगीत शिकयना. तुवें वाजयतना आयकुचें, आयकुचें अशें दिसता. तांणी कोणेय शिकयतना पाठ केन्ना सोंपता काय जाता" तागेली भयण सांगताली.

कृष्णीलें चली जया आतां चवदा वर्सां पिरायेचें जावन सोबीत दिसतालें. तोंडार सदांच हांसो फुलिल्लो आसतालो. मनमोकळेपणान ताणें उलयिल्लें रामाक आवडलें. ताका संगीत शिकयना म्हणपाक तोंडच येवनये अशे तरेन तें उलयतालें. रामण्णान ताका संगिता वांगडा पांचवे यत्ते 'जॉमेट्री' 'आल्जेब्रा' बी शिकोवची पडली.

गांवांतल्यान येतना आवयन पन्नास रुपय रामाकडेन दिल्ले. ते आशिल्ल्यान ताका एक दोन म्हयने त्रास जाले नात. पूण मुखार कॉलेजाचो खर्च मेळोवपाक ताका जायना जालो. "ऐरोडी आज्याक बरोवं? मामाक बरोवं?" म्हूण धा धा पटीं विचार करूनय गप्प रावलो. कोणालेंय रीण घेनासतना बी. ए पूर्ण करपाचें नशिबांत ना अशें ताका दिसलें. निमाणें एक दीस कृष्णवेणी कडेन "मावशे, हें वर्स खूब अडचणेचे दिसता. बी. ए परिक्षा जा मेरेन कितेंय वेवस्था करपाक जायत?" म्हूण विचारलें. कृष्णवेणीन "पळोवया पुता, विचार करनाका" म्हळें. ते रातींच माधवा कडसून उतर मेळ्ळें "तूं पयश्याचो विचार करूंच नाका. तूं जाता तितले घे आनी केन्ना जातले तेन्ना दी. दिनाय जाल्यार जाता. पूण मुख्य म्हळयार, गेल्ले पटी केल्ले भशेन करनासतना तुवें परिक्षा पूर्ण केल्यारच म्हाका खोस जातली" ताणें म्हळें.

रामाक खूब समाधान जालें. संगीत शिकोवन आपणालें रीण पावयन. उरिल्लें मुखार खंय तरी काम करून पावयन. आतां ओगीच तकलेक त्रास करून घेवचो नाका म्हूण तो अभ्यासांत मग्न जालो.

ताका देवान दिल्ली बुद्द आनी विचार करची शक्त आशिल्ली. बी. ए. ताका कठीण कशी जायत? एप्रील यो मेरेन आपणाली शीम हुपून हेंवटेन पावलो आनी ताणें समाधानाचो उस्वास सोडलो. आतां घरा वचपाचो वेळ आयलो. "नीट घरा वचया? काय मद्रासांतच काम सोदया?" म्हळो विचार आयलो. कसोय तरी आवयलो एकट्यान रावचो वनवास चुकोवपाक जाय म्हळो ताणें निर्धार केलो.

वचचे पयलीं, हांगा थंय यल करून पळोवपाक हातांत अर्ज्यो घेवन मद्रासांतल्या तापिल्ल्या वतांत ऑफिसांतल्या दारादारांनी भोंवलो. संसार भर पातळिल्ली अर्थीक अडचण मद्रासाक कशी सोडत? 'नो वेकन्सी!' हें सगळ्या दारार मारिल्लें बरोवप ताचे नदरेक पडटालें. निमाणें एक कडेन पंदरा रुपयांची एक नोकरी मेळत म्हळी जाप मेळ्ळी.

"इतलें शिकून इतल्याक हात पसरावप! एक दोन कडेन शिकोवणी केल्यारय तितले मेळटले" अशें ताका दिसलें. निमाणें "कितेंय जावं पयलीं बी. ए चो निकाल येवंदी. तोमेरेन 'बूक किपींग' बी शिकून मुंबयंतच वचपाक जायत. दक्षिण कन्नडांतले लोक थंय भरल्यात!" ताणें विचार केलो.

एक दीस गांवा वचपाचें ताणें थारायलें. त्या दिसा सांजे आनंदाक आनी जयाक घेवन समुद्रावेळेवेली रेंव माडयता आसतना, उलयतां उलयतां "हांव फाल्यां सांजे रेल्वेर वतलों" म्हळें. अशे तरेन ही खबर तांगेल्या आवय बापाय कडेन पावतली हें तो जाणा आशिल्लो.

"फाल्यांच!" आनंदान म्हळें.

"हय"

"म्हगेलें तें पद अजून सोंपलें ना न्हय?" जयान म्हळें.

"तें सोंपपाक म्हयनो लागतलो."

"तूं परतो केन्ना येतलो?"

"मद्रासाक हांवें कित्याक परत येंवपाक जाय? हांगची यात्रा सोंपली. आतां देवान उपकार केल्यार कसलेंय काम मेळयार येवपाचे शिवाय अशें ओगीच येवपाक जाता?"

"रामण्णाक हांगाच काम मेळपाक जाय!" आनंदान म्हळें.

चली उलयली ना. ती रामालेंच तोंड पळयत आशिल्ली.

"कितें, वायट दिसलेंगो?" रामान विचारलें.

"वायट दिसले शिवाय रावता!" तिणें म्हळें

सांजे उलयत तीं घरा आयलीं. आनंदान एकट्यानच उलोवचें आंगार घेतलां अशें दिसतालें. चलयेन एकूय उतर काडलें ना. आनंदान आवयक रामण्णाली वचपाची खबर सांगली. कृष्णवेणीन येवन "कित्याक इतली गडबड करता रामण्णा?" म्हळें.

"आमा थंय म्हजी कितली हुसकेता कोण जाणा!"

भयणीलो विचार आयलो तशीं तीय ओगी जाली. "हय पुता, तिजे त्रास बाबा चुकनात" म्हळें. रामाक वचपाक तिणें आडायलें ना. दुसऱ्या दिसा रेल्वेर तो भायर सरलो. मंगळुरा येवन उतरलो तशें ताका एक दोन दीस थंय रावचें अशें दिसलें. फाटल्या हॉस्टेलांतले इश्ट तागेल्या तोंडांतल्यान समतावादाचेर भाशण आयकुपाक उत्सुक जाल्ले. पूण ताकाच उलोवपाची उमळशीक नाशिल्ली. आपणालो फुडारच त्रिशंकू सारको अर्द-स्वर्गात लोंबक्रळटा आसतना, देशभक्ती आनी संसारा उद्धार करपाचे भानगडींत हात घालप ताका नाका दिसलें.

तो आपूण जावन सदाशिवमामागेर गेलो. आजी मेली तेन्ना तो मामा ऐरोडीक आयिल्लो. थंय एक काळजाक लागपी गजाल घडिल्ली. ताणें नागवेणी कडेन "आमगेल्या ललितान कितेंय उलयिल्लें आसत तरी तें तूं लक्षांत दवरनाका. तिगेल्या उतराक लागून आमान ह्या गांवांत येवन जीव सोडचो पडलो. चार दीस म्हाका तिजी सेवासुस्रुशा करपाक मेळ्ळी ना" म्हळळें. रामाकडेन पळोवन "रामा, म्हाका पैसलो अशें समजूंनाका" म्हूणय सांगिल्लें. अशें घडिल्ल्यान हे पटी तो आपूण जावन तांगेर गेल्लो. ललिता आदले परस मोव जावन ताजे कडेन उलयली. रामान गांवा येवचे पयलीं मंगळुरांत मास्तरकी

वो हेर खंयचेंय काम मेळत काय म्हूण दोन दीस भोंवन पळयलें. आपणा भशेन जाय ते जाण नगरारण्य संचारी त्या गांवातय आसात म्हळें ताका कळ्ळें. "हें किते! आशेचो एक अध्यांय सोंपता म्हणसर निराशेचो दोंगरच उबो जालो न्हय!" म्हुण विचार करत तो गांवा वचपाक भायर सरलो.

रामायण काळांत श्रीरामा खातीर शबरीन जितले उत्सुकतायेन रानांत वाट पळयिल्ली आसत, ते परस चड आतुरतायेन रामाली आवय नागवेणी तागेली वाट पळयताली. रामाली परिक्षा सोंपली म्हूण कळिल्ले घटके सावन नागवेणी "आयलो ना कित्याक? अजून कित्याक आयलो ना?" म्हळ्ळया हुसक्यान वाट पळयत आशिल्ली.

तेदोळ मेरेन नागवेणीन दीस कशे धुकळ्ळे ते तो देवच जाणा! नारायणमय्यागेरच्यान तिका तसो चड आधार मेळ्ळो ना. तांगेर तांगेल्या चोरडांलोच शेक चलतालो. एक दुडू दान दिवचो आसलो तरी ताका चोरडांल्या उतरा भायर वचपाक जायनाशिल्लें. नागवेणीली आवय मेल्ली त्या दिसा "हांगाच राव" अशें तांणी म्हळ्ळयाक तांकां चोरडांकडसूनच मंगळारत जाल्ली. नशीब तांचें, नागवेणीच नाका म्हूण भायर सरिल्ली. आतां ते फकत येवपाक जाय म्हूण कोडीक येतात. थंय घरांत चोरडां ना अशा वेळार येतना एक दोन शेर तांदूळ हाडून नागवेणीक दिताले. बच्चील्या घोवाली चालगेण पयलींपरस तीन मुडी चड दिवपाक लावन तिगेल्या जेवणाची तितली तरी वेवस्था तांणी करून दिल्ली. पूण नागवेणीक "बच्चील्या तोंडांतलें आपूण काडून खातां न्हय" म्हळी खंत आशिल्ली. अर्दपोट जेवन ती सामकी काडी जाल्ली. पूत आयिल्लो त्या दिसा तिणें नरसिंहमय्यागेर धांवत वचून उश्णे तांदूळ घेवन रांदचें पडलें! तेंय पुताक कळय नासतना.

हो सगळो काळ ती एकेच आशेर जगिल्ली- मुखार चलो काम करतलो आनी मेळयतलो म्हळी ती आशा. नाजाल्यार बच्चीन सांगिल्ले भशेन भविष्य घडटलें. जेवण जाले उपरांत ते रातीं आवय-पूत आंगणांत एका माडा चुट्टार बसून उलयतालीं. रामान "आमः, कसोय हे परिक्षेचो देंवचार सुटलो! आतां काम खंय मेळटलें म्हूण "भिक्षां भवति देही" करचें उल्लां. तूं कशी आसा सांग. कितलोय यल केलो तरी थंय एक पावाणोय मेळोवपाक जालो ना. सानबाप्पाकडेन देडशीं रुपया रीण मात जालें" म्हळें.

मुखार नागवेणीक लिपय-धांपय करपाक जाय अशें दिसलें ना. "पुता, अशें जालें. ऐरोडीसाकून कांय आयलें ना. चोरडां व्होड जाल्ल्यान सानबाप्पालो अधिकार कांय चलना जालो. हांगा हांवें जगपा खातीर काळाक दिल्ल्या शेताची गेण जी मुडेक स आशिल्ली ती सात केली. मुलाज्याक लागून ताणें तें मानलें. हें एक वर्स रोवन पळयतां. मुखाल्ल्या वर्सा सातांचीच गेण आसल्यार हें शेतच म्हाका नाका" म्हणटा. "ह्या वर्सा ताणें अजून चालगेणी कागद करून दिले ना. बीं रोवचो वेळ आयला. हांवच शेत करूं? म्हज्यान तें एकदम करपाक जायत?" म्हणत तिणे पुता मुकार आपणाली अडचण सांगली. रामाक आपणाले पांय खंय आसात हाजी जाण आयली. आपणें खंयतरी बेगीन कामाक लागना जाल्यार आवयक जगपाक वाटच ना हें तो समजलो. बच्चीली गेण वाडयिल्ली खबर आयकून ताणें मान सकल घाली. तागेलो समतावाद आनी भांडवलदारा विशींचो दुस्वास फोंडांत गेलो.

त्या दिसा दोगांक ग्डद न्हिदचें पडलें. फाटले भशेन तांचें उलोवणें चड वेळ चल्लें

ना. उलयिल्ल्या उतरांतय उमेद आनी उत्सुकताय दिसचे बदलाक खंत आनी उणाकपणच दिसतालें.

दुसऱ्या दिसा आवयन "पुता, फाल्यांची चिंता फाल्या, आयचो विचार कर. काळ आमगेलें शेत गेणीक करता काय आमीच तें करचें म्हळें वचून ताका विचारून घेवन यो. बच्चीक परत परत विचारून म्हजें तोंड सुकलें. ती कितें करतली? घरचो यजमान घोवच न्हय?" म्हळें.

रामाक नाका जाल्लें रायभाऱ्याचें काम आंगार आयिल्लें. आपूण सगळें जाणा जावनय आपणें काम करनाशिल्ल्या शेताची गेण वाडोवन तीन मुडी चड गेण घेवपाक जाय. कित्याक काय म्हळयार धनी जाल्ल्याचो मान मेळोवपाक; तशें करना जाल्यार आपणाले आवयन आनी आपूण घरांतच आसल्यार आपणेंय उपाशीं पडपाक जाय. हो सगळो उपद्व्याप फकत बारा रुपयां खातीर करपाक जाय. मागशीं फकत ट्युशनान म्हयन्याक ताजे परस दोट्टी जोड जाताली. आंता येदे ल्हान रकमे खातीर गरीबाचेर अन्याय करचो पडटा" म्हूण तागेल्या सानपणासाकून सरळ विचार करत आयिल्ल्या भोळ्या मनाक दिसलें.

पूण, काळा कडसून चड गेण विचारपाक ताजे कडेन आपणें वचना जाल्यार, तो शेत रोवचो ना आनी आमकांय ते रोवपाचें साध्य जावपाचें ना. शेत तशेंच उरल्यार उडुपींतल्या सावकाराक आमीच दंड भरचो प्रसंग येतलो अशें ताका दिसलें आनी तो सवकास मुंडकारागेर गेलो. ताणें काळाक "कसो आसा?" म्हूण विचारलें. बच्चीलो घोव वात भरिल्ल्यान पांय सोडून बशिल्लो. तागेलो अठरा वर्सां पिरायेचो चलो पांय अडचितालो. "असोच आसा धनया, मरणाची वाट पळयत" ताणें म्हळें. उपरांत आपणाल्या संसारांतले तापत्रय सगळे रामाक ताणें सांगले. तेन्ना रामा सारकेल्याक उलोवपाक तोंड येत?

तितल्यांत बच्चीन, "तुमी धनयाक कितें तें नक्की सांगात. शेत रोवपाक ह्या वर्सा घेतले काय सोडतले ते सांगून उडयात. ते हें विचारपाक आयल्यात आसतले. वगीच सुंकाकट्यार सुखदुख सांगिल्ले भशेन कित्याक करप?" म्हूण घोवाक गवजी घाली.

रामान ल्हवूच "ओगीच शेत रोयनासतना बंजर दवरून आमचेर ओगीच गेण भरपाचो प्रसंग येवचो न्हय म्हूण आयलों" म्हळें.

"धनया, तुमगेल्या घराण्याचे आमचेर उपकार नाशिल्ले तर? तुमगेले घरची खबरय हांव जाणां. मगेले हे परिस्थितींत हांव शेत रोयन म्हूण धैर्यान सांगपाक शकना. पळयात, म्हज्या घरांत आसपी हीं येदीं येदीं भुरगीं. तातूंत गेण सात कर म्हळयार जालें! रीण करून गेण पावोवप?"

राम घरा परतलो. "आमा, तीन मुडी गेण जास्त करून तांणी जगप कशें? बरें, ह्या वर्सा आमीच रोवया म्हळयार आमचे कडेन आसा कितें? ऐरोडीसाकून कितेंय आधार मेळटलो म्हळयार, तुवें सांगिल्लें आयकून भंयच दिसता. तेपरस बच्चीक फाटले गेणीनच दिवया" ताणें आवय कडेन म्हळें. आवयकय तशेंच दिसतालें. अशे तरेन आपणाले गरीबीचो धग आपणेच सोसचो अशें तांणी थारायलें.

राम घरा येतलो म्हूण नागवेणीन नरसिंवमय्याकडसून एक कळसो तांदूळ हाडिल्लो.

तो यो मेरेन दिसाक अर्द पावय काडनाशिल्ली. आतां एक पाव तांदूळ घालून पेज करपाक लागली. मिरसांग, मीठ घरांतच जाता. नागवेणी आपूणच मीठ करून मिटा सत्याग्रह आपणाखातीर उपेगांत हाडपाक लागली. बच्चीक सांगून घांटावेल्यान चिंचे गुळे हाडून घेतिल्ले. तांगेर गोड पळयनासतना स म्हयने जावन गेल्ले.

मद्रासांत कृष्णवेणीगेर बरे तरेचें जेवण जेवत आयिल्ल्यान आतां आपणाल्या घरांतलें हें सुदामालें जेवण रामाक जेंवप त्रासाचें जरी जातालें तरी वेल्लूरचे बंदखणींतल्या जेवणा परिक्षेंत पास जाल्ल्यान आंता ताका बऱ्याक पडलें. पूण आपणाली आवय दोन पिंदक्या कापडा कुडक्यान आंग धांपपाक धडपडटा तें ताका बरें दिसना जालें. येतना आपणें यादीन हाडिल्ल्यो व्हायोलिनाच्यो तारो चार दिसां उपरांत आवयल्या हातांत दिल्ल्या वेळार "पुता, हें हाडचे बदला एक सादो उण्या मोलाचो कापडा कुडको हाडल्यार केदो उपकार जातालो! व्हायोलिनाच्यो तारो तुटून स म्हयने जावन गेले न्हय? पोटाक नाशिल्ल्याक कित्याक संगीत!" तिणें म्हळें. ते आयकना फुडें तर ताका "पुताकडसून आवयली मर्यादा राखपाकय जायनासतना आसप?" म्हूण वायट दिसून ताजें मन सामकेंच कळवळ्ळें.

आतां गांवा आयिल्लो राम घरांतल्यान चड भायर पडनाशिल्लो. रातीं व्हायोलिनाचो "कुंयकूंय" आयकून बच्ची धनी "गांवांतच आसात" म्हणटाली रामाक, खंय न्हय जालें तरी केन्ना केन्नाय दर्या वेळेर वचन अशें दिसतालें. पूण घरा भायर न्हेसपासारकें आवयकडेन ना म्हूण जाणा जाल्ल्यान दिसा उजवाडा आपूण घरांत बसतालो. रात जाली तशें आवय वांगडा समुद्रा वेळेर वचून येतालो. वैशाख म्हयन्यांतलो धग, वारो नाशिल्लो दर्या, कुपांबगर मळब, हें सगळें पळोवन "आमगेलो दर्या असो केन्ना निरस नाशिल्लो!" म्हूण पुतान म्हळ्यार "अवंदू पावस मुकार वता" म्हूण आवय म्हण्टाली. चड कितेंय उलोवपाची दोगांकय आस्त• नाशिल्ली. एकेक पटी तो म्हणटालो, "आमा, बाप्पा खंय आसा म्हूण खबर आसा? एक पटी ताका पळोवया अशें दिसता."

"पळोवन जावचो उद्धार कितें पुता?"

जालें, थंयच तागेली उमळशीक सोंपताली. दोगांय जाणां खूब वेळ मेरेन उलयनासतना बसून, बेजारान घरा येतालीं आनी गिमाचो धग आशिल्ल्यान 'उस्स' करत चौकेचेरच आड पडटालीं.

सदांच रांदचे कूड, कोटेव्हयरी, चौकी, गोठ्यांत आवय फाटल्यानच घुंवपी रामाक भितर तांदूळ कितले आसात तें कळिल्लें. ते सोंपचे आदींच मुखाल्ली वाट सोदपाची येवजण तो घालपाक लागलो.

एक दीस कसली तरी याद जाल्ले भशेन "आमा, त्या दिसा वणटींत रुपय मेळळे म्हूण बरयिल्लें न्हय, खंयचे वणटी खांच ती? सुब्बी आत्यानय 'आज्याक वणटींत बोतो करून रुपया भरून दवरची संवय आशिल्ली' म्हळें. हे न्हय नसते. म्हारगाये वेळार तसले कडेन एक गांठ मेळत काय म्हूण हांव सपनां रंगयत आसां" म्हूण रामान आवयकडेन म्हळें. आवयक हांसो आयलो. "पुता, म्हजे भयणीक तुवें दिल्ले पयशेच हांगा पावताले. तुका सांगनयो अशें तिणें कळीत केल्लें म्हूण तशें बरयलें" म्हळें.

तें आयकून रामाक एकदम हांसोच फुटलो. तसो बेजारलोय. उपरांत "आमा,

ललितामामी आनी हे मावशेंत कितलो फरक! म्हाका तिणें आपणाल्या चोरडां परस वेगळो मानलो ना. हांवें येवच्या वेळार 'आकाक हांगा यो म्हूण सांग' म्हूण तीन-तीन खेप सांगलें.

"पुता, तिका देवानच तशी बुद्द दिल्या. सगळे जाण तिजे भशेन आसल्यार संवसार असो आसतालो?"

"आमा, म्हजें नोकरी सोदपाचें काम सोपे तरेन जायत अशें दिसना. निमाणें संगीत शिकोवन जालें तरी धा पंदरा रुपय मेळयन. पूण हांवें खंयचीय एक वाट धरमेरेन तुका हांगा अशें रावपाक कशें साध्य जायत? बरें, हांवें हांगाच रावन कितें करपाक जातलें? ह्या गांवांत कितें मेळयतलों हांव!"

"हांगा कांय ना पुता."

"तुवें मावशेगेर वचून थंय कांय दीस रावल्यार जायना? तिकाय खूब खोस जातली. म्हाका तुगेलो हुसको नासतना काम सोदपाकय मेकळीक मेळटली."

"पुता, ती बरी, ती एक देवच. पूण तुवें म्हाका व्हरपा सारको वेळ यो मेरेन म्हाका ही भूंय सोडन अशें दिसना."

रामाक परत तोंड बंद करचें पडलें. दुसऱ्या दिसा घरा बसपाक जायनासतना नरसिंवमय्यागेर गेलो. ताजेपरस तो खूब वर्सांनी व्हड. तांकां घर, घरचें उत्पन्न, बेंगळूरची येणावळ सगळें बरें आशिल्लें. तांणी रामाक पळोवन आपोवन बसयलें. "केन्ना आयलो पुता? खंय आसा आतां? कितें करता?" म्हूण सगळी चवकशी केली. अशें तशें उलयत नरसिंवमय्यान "तुका व्हायोलीन बरें वाजोवपाक येता खंय! आमी गांवच्यानीं तें आयकुचें न्हय?" म्हूण विचारलें.

"आयकुचें न्हय आनी कित्याक? तातूंत वेगळे अशें काय ना" म्हूण ताणें नमळतायेन जाप दिली.

"कितले दीस गांवांत उरतलो? मुखार कितें करतलो?" म्हूणय विचारलें. कांयच लिपोवन दवर नासतना रामान आपणा मुखाल्लें रिकामें मळब तांका दाखयलें.

"तुमकां इंग्लीश शिकिल्ल्यांक कशें दिसता कोण जाणा; आयकता जाल्यार सांगतां. म्हगेल्या भावाले बेंगळूरात हॉटेल आसा. थंय म्हगेलो भाव जनार्धन आसा. थंय व्होड लोकान येवपाचो जागो. दोग इंग्लीश कळपी मॅनेजर आसल्यार जातालें अशें ताणें बरयलां. तूं कसोय आमचोच: जेवण वचून म्हयन्याक वीस रुपय पगार मेळटलो. तुज्यान जायत? मनाक उणाक अशें दिसता जाल्यार हांव कांय कर म्हणना" तांणी म्हळें.

राम विचारांत पडलो. ताणें असलो विचार केलोच नाशिल्लो. पूण काम करपाची गरज ताका आशिल्लीच. पूण हॉटेलांत कामाक रावप... हें मात ताका कशेंशेंच दिसले.

तें रातीं ताका थंय जेवणाक दवरलें. रात जाली तशें व्हायोलिनाचें वाजोवपय जालें. चार गांव भोंविल्ल्या नरसिंवमय्यान "बरें जालें राम, तुगेल्या हातांत उंचेली कला आसा" म्हळें. मुखार उलोवप थांबय नासतना, "तूं हांगा उरतलो जाल्यार आमगेले लक्ष्मीक एक दोन पदां म्हणपाक शिकय. हांव कितेंय दीन. तुगेले आवयली परिस्थितीय हांव जाणां. हें तुज्यान जायत?" म्हूण विचारलें.

नरसिंवमय्याल्या उतरांत व्हडपणा वांगडा ऐताळाल्या नातवाविशीं आपलेपणय आशिल्लें

तें रामाक दिसलें. तातूंत मागशीचो घराण्याचो दुस्वास इल्लोय जरी आसतालो जाल्यार आवयक तांगेर उश्णे तांदूळ खंय मेळटले आसले?

रामान आपणालो बी. ए. चो निकाल लाग मेरेन वाट पळोवपाक जाय न्हय? तो वेळ मेरेन आपणाली गान विद्या पयसो मेळोवपाचें साधन करचें असो विचार करून तांगेले चलयेक गायन शिकोवपाक लागलो. आवयचेंय मन जरा ल्हव जालें.

○

27

नरसिंवमय्याली चली लक्ष्मी संगीत शिकताली. आपणालो बी. ए. चो निकाल लागमेरेन रामाक एक काम जाय आशिल्लें. मुखारय कितें म्हळें कांयच कळ नाशिल्लें. आसा तें सोडचें न्हय देखून ताणें तें काम करपाचें थारायिल्लें. तागेली शिश्यीण मात म्होंवागळया बदलाक काकगळयाची आशिल्ली. तिका पदां म्हणपाची आवडय नाशिल्ली, इत्साय नाशिल्ली. हें तिगेल्या बापायकडेन म्हणपाकय ताका धिटाय जायनाशिल्ली. तिगेलें शिक्षण बंद केल्यार मेळपाचे चार पांच रुपय बी ना जातले न्हय?

ताका एका म्हयन्या भितर ह्या संकटांतल्यान मेकळीक मेळळी. बी. ए. निकाल आयलो. तागेल्या अंदाजाप्रमाण तो पयल्या पांवड्यार पास जाल्लो. कृष्णील्या घोवान मद्रासांतल्यान ताका आशीर्वाद दिवन कागद बरयिल्लें. ताका काम मेळचे खातीरय यत्न करतां म्हूणय बरयिल्लें. रामालें आतां शिक्षण पूर्ण जाल्लें. ताणें आवयक "आमा, कितेंय म्हळें तरी म्हगेल्या शिक्षणान हांगा पोट भरून रावपाक म्हाका जावचें ना. म्हाका एक काम मेळळयार हांवें आनी तुवें मेळून बरे तरेन रावपाक जातलें" अशें सांगून आपूण दीसयभर विचार करपाक लागलो. 'मुखार कितें?' म्हळळो प्रस्न भूताकार घेवन ताज्या दोळयां मुखार नांचतालो. ते धटकेकच नरसिंव मय्यान ताज्या हातार संगीत शिकयिल्ल्याचे चार रुपय दवरले. रामाक खूब खोस जाली. त्या दीसच ताणें आवयक एक नवें कापड हाडून दिलें. "आमा, फाल्यां सांजे समुद्र वेळेर भोंवपाक वचया" म्हळें.

नागवेणी ताका नरसिंवमय्यान सांगिल्लींच उतरां सांगताली. "पुता, तांणी आपणाकडेन कामाक यो, बेंगळूरांत काम दितां म्हूण सांगलां खंय न्हय?" रामालें तोंड तें आयकून बावलें. ताणें कितें करचें? मुखार खंयचेंच काम दिसना. मद्रासांत फिरिल्लो तेन्नाचो अणभव सामकोच वायट आशिल्लो. हेवटेन आवयक अशे तरेन गरिबींत तळमळावचें ताका कशेंच नाका आशिल्लें. पूण हॉटेलांत काम करूं? सुब्बीआत्याल्या तोंडांतल्यान राम ऐताळ आनी शीनमय्या हांचे मदीं पेटिल्लीं झगडीं ताका कळिल्लीं. हॉटेला पयश्यार आपणाल्या आज्याक केदो तिरस्कार आशिल्लो हें ताका समजल्लें. तो उद्योग वायट असो जरी ताका दिसलो ना तरी आपणालो आजो जागेलो दुस्वास करतालो तागेल्याच घरांत नोकर जावन रावप म्हळळो विचार ताका सहन जायना जालो.

बरें, ताका असो कितलो लाब जातलो? म्हयन्याक वीस रुपय मेळोवपाक हरकत ना. पूण मुखार कितेंय लाब आसा? बडटी जावं आनी कितेंय तें चड मेळपाचें आसा? फुडारा प्रस्न ताणे सुटपाचो ना म्हळळें निवळ दिसतालें. पूण कांयच सुचनाशिल्ल्या त्या वेळार "वीस रुपयान जायनाशिल्लें कितें आसा?" म्हूणय दिसतालें. बेंगळूरांत आपूण उरल्यार मद्रास लागीं जातलें. बेंगळूरय एक व्हड शार. ह्या दोनूय शारांत पळयत रावल्यार कांय दिसांनी खंय तरी बरें काम मेळळे बगर रावचें ना म्हळळी आस्त आशिल्ली. तरी रातभर मन अस्वस्थ आशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा सांजे "आमा, तुवें सांजेक समुद्रा वेळेर येनासतना कितले दीस जाले! चल, वचया" म्हळें. आवय आनी पूत सावकास रेंव माडयत शिट्यावेल्यान सकल देंवलीं. पांयान रेंव वयर उडयत चारी वटेन उबयत, उडपी धुल्ल पळयत राम वाटभर चलतालो. आवय कांयच उलयली ना. पुताल्या मनांत कितें आसत काय, तो कितें सांगतलो काय, आपणाल्या ह्या त्रासाक अंत आसत काय असले प्रस्न पैस दिसपी पांळां भशेन एका फाटल्यान एक येताले. एक पाळ दुसऱ्याक गिळटालें. तें दुसरें पाळ तिसऱ्याक गिळटालें.

दर्या लागीं आयलो. त्या दिसा सूर्य कुपां पड्डया मागश्यान, तेज आसूनय नाशिल्ले भशेन, बुडत आशिल्लो. मळबार कुपां तशीं चड नाशिल्लीं. मळबाक रंगय नाशिल्लो. मातसो वारो सुटून कुपां फापसल्ल्यान जायत, बुडत आशिल्ल्या सूर्याचीं किरणां पडून, मळबाचो माटोव झिळमिळपी उजवाडान भरिल्लो. तांबडो जावन, नारिंगी जावन, मडकी जावन, निमाणें धुकट आयिल्ले भशेन जावन थंय कसलीच सोबीतकाय ना जाली. राम पांय पसरावन बसलो. तागेली आवय लागींच पाळांवटेन तोंड करून बशिल्ली. हातांत एक शिंपी घेवन जमनीर कसलींतरी चित्रां काडिल्ले भशेन करतालो. तागेली ल्हानपणांतली चित्रां काडपाची संवय तागेल्या बोटांत नाचताली. तेवटेन ती उतरिल्ल्या तोंडान पैसल्या मचव्या शिडाकडेन पळयताली. जाय तो वेळ मेरेन वाट पळोवन आवयनच मौन मोडलें.

"मचवे बी बंदरार येवपाचे बंद जाले आसतले. हिशेबान पळयल्यार आनी पांच स दिसांत पावस सुरु जावपाक जाय. तरवो घालपाक जाय तितलोय पावस अजून पडलो ना. हाजे मुकार तरी वेळार पावस पडल्यार पुरो!"

"हूं."

"ह्या वर्सा व्यापारय उणो काय दिसता. दीस वतात तशे आमगेल्या हंगारकट्टेचो व्यापार उणो जायत चल्ला असो दिसता! समुद्रांतल्यान भितर येवपी मचवे उणे, सामकेंच उणे जाल्यात!"

त्या उपरांत दोन खीण जातकीर "कितें म्हळें?" म्हूण समाधींतल्यान उठिल्ले भशेन रामान विचारलें.

आवयन म्हळळींच उतरां परतून म्हळीं. तेन्ना ताणें "आसत, थंय बंदरार गेल्यारय उगडीं आसपी गुदामां परस धांपिल्लींच चड दिसतात. आमगेल्या आज्याल्या काळांत त्या बंदरार खूब व्यापार जातालो अशें म्हणटात."

"तेन्ना कित्याक, आमी ल्हान आसतना मंगळूरसाकून आयल्यार हंगारकट्टे धक्यार कितले मचवे आसात तें आमी मेजतालीं. आतां तितले खंय, येवपी मचवेच दिसनात. खंय तरी पांच-स येतात जातले मचवे."

"तें आसूं, नरसिंवमय्याक आमी कितेंय तरी सांगपाक जाय न्हय?"

"जायत आमा. म्हाका आतां दुसरी कसलीच वाट दिसना. पूण वीस रुपय घेवन कशें जगप? तूं आयल्यार हांव कसोय दीस काडन."

"पुता, तूं पयलीं थंय वचून कांय दीस रावन सगळें समा जाता काय पळय. तुगेल्या नशिबांत आसल्यार दुसरेंय काम मेळत. त्या उपरांत जाय जाल्यार हांव येतां."

"जाय जाल्यार म्हळयार! म्हाका तूं नाका तर!"

"तशें न्हय पुता. तूं नाशिल्ल्या वेळार हांव कशें जगतां तें 'ताका एकट्याकच' खबर.

पूण खबर नाशिल्ल्या गांवांत दोगांनीय एकदम वचून, तें काम तुका परवडना जाल्यार सगळोच घोळ जातलो न्हय...?''

''तें खरे, पूण तुवें 'जाय जाल्यार' म्हूण म्हळें न्हय?''

''तशें न्हय पुता. हांगचे त्रास जाणा जावनय तुगेल्या आज्यान बांदिल्लें हें घर. तांणी मरच्या वेळार हांव आशिल्ली. तांगेल्या मनांत कितें आशिल्लें तें हांव एकटीच जाणां. हें अशें हांवें सोडून वचप म्हळयार 'कितें म्हजें हें फुटकें नशीब!' अशें दिसता... पूण देवाली इत्साच तशी आसल्यार म्हज्यान कितें करपाक जाता?''

''आमा, जें घडटा ताका देव कितें करतलो?''

''तेंवूय खरें. ताका दोश दिवन फायदो ना. पूण तें सगळें आमगेल्या हातातलेंच काम न्हय?''

उलोवप चलतनाच खूब वारो व्हांवपाक लागलो. रेंव दोळयांत आनी तोंडांत उडली. मळबार कुपां एकठांय जालीं. ''पुता, व्होड पावस येतलो सो दिसता. बेगी घरा वचया. पावसाळो आजच सुरु जाता काय कोण जाणा!'' आवयन म्हळें

धांवतच तीं घरा येवपाक लागलीं. सांजेचो चड वेळ जरी जालो नाशिल्लो तरी काळोख जाल्लो. वारो येवन माड मस्तेल्ल्या नागाभशेन शेंडे हालोवपाक लागले. आवाऱ्यार दोळे उगडे दवरून तांकां चलपाचेंय कठीण जावपाक लागलें. कशीं तरी धांवत धांवत घरा पावलीं. वाऱ्या फाटल्यान झक्क जोगूल मारलें. एकदम आयिल्ल्या पावस वारो आनी गडगडटान रात थरथरली. नागवेणीन घरांत पावल पडटनाच ''पाप, येदोळ पळयिल्ल्या मचव्यावेले भर समुंद्रांत कितें करतले कोण जाणा! हाकाच लागून गीम सोंपतना कोणय मचवे सोडनात. तो खंयचे गांवचो मचवो कोण जाणा! खंय वता कोण जाणा? हंगारकट्टे बंदरार तरी पावल्यार...'' ती चुरचुरली.

त्या उपरांत जाय तो वेळ मेरेन त्या आदीं आयिल्लो झडमोडो, बुडिल्ले मचवे, गीम सोंपतना जाल्ले अळवेकोडींतले अपघात हांचेर उलोवणीं जालीं.

नागवेणीक आपणें पळयिल्ल्या त्या एकल्या एकसुऱ्यां मचव्याची रातीं खूब पटी याद जाली. रातभर पावस थांबलो ना; वारोय उणो जालो ना! न्हिदिल्ल्यांक झांपड लागली ना. मध्यान रातीं नागवेणीन उठून ''रामा, गोठ्यांत पळोवन येतां. गंगा-तुंगा न्हिदलीं काय ना जाणकोण! गोट्याक तणय शिंवलें नाशिल्लें गेल्ल्या वर्सा. अवंदू पाखें सगलें पोंवतलें'' म्हळें. दिवो घेवन गेल्यार वाऱ्यान रावचो ना म्हूण झगझगपी जोगलां उजवाडांतच वचपाक लागलीं. ''हांवूय येतां आमा'' म्हणत रामय फाटल्यान गेलो. आंगण काडून गोठ्यांत पाव मेरेन दोगांय जाणां अर्द भिजलीं. थंय जोगला उजवाडांत कितें दिसप? गोठ्याचें पाखें सगळें गळसल्लें. पावसाचें उदक भितर जोरांत गळटालें. गाय आनी वासरूं भिजून भिवन थरथरत उबी आशिल्लीं. तुंगी-गंगा काकुळटेन नागवेणीक पळोवन ''अंबा!'' म्हुण हांबेली; ''फाल्यां शेण भरचें पडल्यार पडूं, येयात बरोबर, चौकेर बांदतां'' म्हूण तांचीं दांवीं सोडयलीं. रामान वासराक धरलें. नागवेणीन आवयक घरांत चौकेर बांदलें. उपरांत आपणालें आंग, हड्डें बी पुसून घेवन शियान कुडकुडत न्हिदलीं. पांगुरपाक जाय तेदें वस्त्र नाशिल्लें.

नागवेणी गोट्याचोच विचार करताली. ''पुता, गोठो शिवना जाल्यार पडटलो. शिंवपाक

तण खंयच्यान हाडूं? शेत रोयल्यार न्हय तण मेळपाचें!''

''आमा, सुराल्या चेड्याकडेन तण ना? उशणे दिवचो ना?'' म्हळें.

'' गेण चड धरना म्हळयार दितय. पूण ही पावसाळयाची सुरवातच आसत तर मात शिंवप कठीण जातलें.''

उरिल्ली रात कशीय न्हिदून काडली. तांकां जाग आयली तरी तुंगी आनी गंगा उठलीं नाशिल्लीं. तांकां थंयच्यान सोडोवन गोठ्यांत परतून बांदचेंय साध्य नाशिल्लें. रातीं पडिल्ल्या पावसान गांव सगळो उदकान भरिल्लो. तळयांतल्या बेब्यांचो आवाज घुंवतालो. लागिल्लो पावसय थांबलो नाशिल्लो. तांगेल्या अंदाजा भशेन तो पावसाळयान पावल घाल्लोच दीस जालो.

नागवेणीक हुसको जालो. कशेय तरेन गोठो शिंवन उडोवपाक जाय म्हूण तिणें माडा चुड्टां विणून दवरिल्लीं. पूण सामकेंच कुशिल्लें तण थांबनाशिल्ल्या पावसांत काडून, परतून तण घालमेरेन वण्ट्यो भिजून गोठो पडत म्हळी भिरांत आशिल्ली. हेवटेन कामाक कोण येतले, म्हळोय विचार आशिल्लो. सुराल्या काळान हातुळण धरलां. तांगेलीं भुरगीं शेतांत नांगरपाक गेल्यांत. बच्चीन पांयंशी तणा काट हाडून उडयले. तेवूय उदकान भिजल्यात. अशे परिस्थितींत रामच पांख्यार चडलो. पावसांतच आपणाक कळटा तशीं ताणें मल्लां घालीं. नागवेणीन एकेक करून तणा काट वयर दिले. रामान ते घेवन पाखें शिंवलें. त्या पांख्याचें रूप पळोवचें न्हय! पूण हो पावसाळो एक काडल्यार पुरो म्हूण येवजून काम मेकळें केलें.

नागवेणीन नरसिंवमय्यागेर वचून पुता बद्दल उलोवणीं केलीं. वचपा खर्चाक तांणीच दिवपाचें म्हूण थारायलें. बेंगळूरच्या भावाकय तांणी हेंविशीं कागद बरोवन कळयलें. पांच स दिसांत रामान आवयक वेंग मारून रडत ''आमा, दर म्हयन्याक तुका जाय तितले पयशे हांचे कडच्यानच घे. म्हगेल्या पगारांतल्यान घेतल्यार जाले. तुवें अर्द पोटार रावल्यार म्हजी आण आसा'' म्हूण सांगून गेलो. पावसांत भिजतच गांव सोडलो. त्या पावसांत साते धरून बस चडटना पावसा तोंडांतल्यान हांतुळण सांबाळचेंच कठीण जातलें.

नागवेणीले एकसुरे जिणेक परती मेकळीक मेळळी. सदांच पुताल्या कागदाची ती वाट पळोवपाक लागली. तो वचून पाविल्ल्या दिसाच ताणें थंयच्यान कागद बरयलें. ''येवन पावलों, खुशाल आसा'' म्हूण.

उपरांत येवपी कागदांतय ''हांव बरो आसां'' इतलेंच ताजे विशीं उरतालें. पूण आवयविशीं समजून घेवपाचे उत्सुकतायेन विचारिल्ले प्रस्नच खूब आसताले. तीय पुताक बरयताली. वचून पाविल्ल्या वेळार ''आमा, तुका जाता तितले बेगीन आपोवन हाडचो योग आयल्यार पुरो'' म्हूण देवा कडेन मागून बरयिल्ल्या कागदा उपरांत खंयच्याच कागदांत तशें ताणें बरयलें ना. पूण ''आमा, तुवें नरसिंवमय्या कडसून ह्या म्हयन्याक एक मुडी तांदूळ घेतले म्हूण आयकून खोस जाली. थोडे पयशेय कित्याक घेतले नात? म्हजें हांगा जेवण खाण वता. कागद-पत्रां बरोवपाक तितलो थोडो खर्च जाता. दुसरो कसलोच खर्च ना. जमल्यार कृष्णवेणील्या घोवा कडसून घेतिल्लें रीण पयलीं पावयतलों म्हणटा'' म्हूण बरयिल्लें. हें रीण पावचे पयलीं आपणें बिराड करचेंच नाका अशे ताका दिसतालें.

पूण बेंगळूरांत दीस वतां वतां, थंयच आवयक हाडून बिराड करचें म्हळो विचार

भागत गेलो. पूण तो विचार ताणें आपणाल्या कागदांत बरयलो ना. मनांत मात तशें दिसतालें. खंय तरी मुल्यात भाड्याक रावन वीस-पंचवीस रुपयांत संवसार जाता? जालोय जाल्यार समाधान मेळत? म्हळ्ळोय विचार योतालो. तेवटेन गांवांतलें घर सांबाळून दवरपाकय खर्च करपाक जाय म्हळ्ळो विचारय घोळटालो. नागवेणी तर दर एका कागदांत पुतालो समाचार कळपाचे इत्लेन "कसो आसा? केन्ना येतलो?" म्हूण विचारताली. शिवाय आपणें येवपाचो विचार आसा म्हूण केन्नाच बरयनाशिल्ली. अशा वेळारच तिका रामा कडसून एक कागद गेलें. "आमा, तुका आपोवन हाडून वांगडा रावया म्हळ्ळे आशेन आसा. पूण तूं आयली तरी हांगा एके तरेचो नरक चुकपाचो ना. पयश्या अडचण आसतलीच. शिवाय हांवय चड वेळ घरा उरचो ना. सकाळीं पांचाक उठून हॉटेलांत बसल्यार बारा मेरेन थंयच. जेवन अर्दवरभर आराम घेवन परत गेल्यार मध्यानराती दिवो पालय मेरेन थंयच बसून रावचें पडटा. न्हिदच्या वेळार आंग सगळें दुखता. तूं हांगा आसल्यारय तुजे कडेन उलोवपाक एक अर्दघटका तरी मेळत? अशें आसतना बरो वारो येवपी आमगेलें घर सोडून, हांगा असल्या शारांतल्या खंयच्या तरी कोनश्यांत जप करत बस म्हूण तुका कित्याक त्रासदिवप? हांवेंच वर्साक एक पटी थंयच येवन तुजे कडेन चार दीस रावन आयल्यार पुरो काय अशें दिसता" म्हूण ताणें बरयिल्लें.

मुखावेल्या एक कागदांत आपणाक बरें काम मेळपाक जाय म्हूण केल्ले खटपटे विशीं बरयिल्लें. "हांगा आयिल्ल्याक जाय त्या जाणांली वळख जाली. हॉटेलांत येवपी कांय व्होड मनशांकडेन इश्टागत जाल्या. एकदोग जाण सामकेच आत्मीयतेन वागतात तें पळोवन खंय तरी काम मेळत काय म्हूण विचारलें. उलयतना सगळे खूब भरवंसो दितात. आपणाक आशिल्ल्या प्रभावाविशीं सांगतात. पूण हातान कांयच जायना. हांवेंय उणे यत्न केले नात. खंय खंय रिकामे जागे आसात थंय थंय अर्ज घालपाचेंच काम करत आसा. पूण ताका लागून पोस्टा तिकिटा खातीर मात खर्च. कोणूय हात धरून उखलपी आसल्यारच काम जाता. मद्रासांतल्यानय ह्या कांय दिसांत निराशेचींच कागदां येतात. हें वर्स सोंपमेरेन मद्रास शारांतल्यांक दिवपाचें रीण मेकळें जातलें. तें पावल्या उपरांत मुंबयंत वचून यत्न केल्यार काम मेळत अशें दिसता. तें व्होड शार. आमगेले जाय ते जाण थंय आसात खंय. हांगचे परस थंय चड पगार मेळटा" म्हूण ताणें आवयक बरयिल्लें.

आनीक एका कागदांत सदांचीच तक्रार आशिल्ली. "सकाळीं उठून गल्ल्यार बसतां. तशें एक खेप खुर्चेर बसलो म्हळयार पैशे घेवप आनी बिलां बरोवपाचें काम सुरू जाता. दोन वरांनी एक पटी येवन मय्यालो भाव नोटां सगळीं घेवन वेगळे पेटयेंत दवरता. हांवें येवन स म्हयने जावन गेले. ताणें पैशे मेजपाचें आनी म्हजे कडेन वागपाचें पळयल्यार कोणा तरी चोरा कडेन चावी दिल्ले भशेन तांकां दिसता काय असो दुबाव मारलो बगर रावना. असो दुबाव आसत तर म्हाका हांगा कित्याक बसयला तें कळना. म्हाका अशें दिसता; तांकां कोणाकय इंग्लीश कळना. आमगेल्या हॉटेला सामखार बी. ए. शिकिल्ल्या एकट्यालें हॉटेल आसा. जाय ते शिकपी भुरगे आनी तांगेलें इश्ट थंय येत आसतात. तांचे कडेन तो मालक इंग्लीश उलयता. ताका लागून त्या हॉटेलाचो मान वाडला अशें दिसून आपणाक इंग्लीश कळना म्हूण म्हाका आपोवन हाडला. पूण म्हजेर तांकां भरवंसो आसपाक नाका ? पैसो न्हय तो! हें सगळें पळयल्यार फकत चोराभशेन हांवें हांगा दीस

काडपाचे काय दिसता? ते दितात त्या वीस रुपयां खातीर...? आनेक मजेदार गजाल म्हळ्यार, वीस रुपय सगळे म्हाका पावनात. सदां हिशोब करतना म्हजे नदरचुकेन आयिल्ले झरिल्ले पैशे, खोटीं नाणीं सगळें म्हज्या हिशोबांत धरून म्हज्या पगारांतल्यान उणे करतात. पूण झरिल्ले पयशे मात आपणाकडेनच दवरतात: आमकां गिरायक उणें ना. थंय दोळयांत तेल घालून बसलों तरी एकटो ना एकटो चलनाशिल्ले पैशे घुसडावन सोडले बगर रावना. सांज वेळार चड व्यापार आसतना तसले आयल्यार सारके पळोवन घेवपाकय थंय वेळ नासता..''

कांय दिसांनी आयिल्ल्या कागदांत ''खंय तरी एक दोग संगीत शिकपी मेळटात काय पळयल्यार तेंय मेळनात अशें दिसता. आमचेकडेन येवपी एक दोग संगीत जाणकारां कडसून संगिताविशीं बरें उतरच येना. तुगेलो गुरू तुका कितें सांगतालो! तशेंच. शिवाय हांगा संगीत शिकतल्या परस शिकोवपी चड आसात...''

रामाक एक खोस म्हळयार आवयक जेवणाची आनी न्हेसपाची अडचण आतां येवपाची ना म्हळी. तशी ती आयलीय ना. वर्स सोंपचे वेळार आपणाले शिलकींतले रामान शंभर रुपया माधवाक धाडून दिले. थंयसून ताणें ''तुका कसली गडबड आशिल्ली? आमी तुका पैशे विचारिल्ले? तुगेले अडचणे वेळार अशें कित्याक केलें? आमी रीण दिल्ले मारवाडी तर...! दुसऱ्यान कोणें तरी तुजेर भरवंसो दवरलो ना म्हूण तूं आमकांय तसोच समजता?'' अशें बेजारून कागद बरयिल्लें. रामाकय वायट दिसलें. तांगेल्या मायेमोगाची ताका याद आयली. निमाणें तांचेकडेन आपणाली चूक जाली म्हूण माफी मागून ताणें कागद बरयलें. इतलेंच न्हय, तर तांकां बरें दिसपाक गांवा वचपाचें केल्यार तुमगेर येवन थंयसून वतलों'' म्हूणय बरयिल्लें. उलट टपालानच ताका आनंदालें एक व्होड कागद आयिल्लें ''आमकां विसरनाका तूं रामण्णा!'' म्हळोच त्या पत्रांतलो सार आशिल्लो.

गीम आयलो. रामाक विस्रांती जाय अशी दिसली. ताका हॉटेलांतल्या कामान पुरो जाल्लें. पूण घरा वचून येवपाक पैसो जाय. थंय वचून रावल्यार एका म्हयन्याचो पगारय मेळचो ना. परतून ह्याच कामाक येवपाक जाय. आवयक बरोबर घेवन येवपाचीय परिस्थिती ना. तिका पळय नासतना रावपय साध्य ना. ताजे परस आनेक वर्स हांगा रावन दोन म्हयन्या रजेर मुंबयंत वचून कामा खातीर भीक मागत भोंवल्यार काम जातलें अशेंय ताका दिसलें.

नागवेणीक पुताक पळयन अशें दिसले बगर रावत? ''पुता, रजा घेवन गिमांत घरा यो. पयश्याचो विचार करत रावल्यार केंस पिकतले. नशिबांत आसल्यार दीस कशेय वतले. ना जाल्यार कितेंय करून पोट भरपाक जातलें'' तिणें कागद बरयिल्लें.

तें बरयिल्ल्या एका सप्तकांतच तिणें आनेक कागद बरयलें. नरसिंवमय्यान ''तुगेलो चलो गिमांत कितें करता खंय? ताणें गांवा आयल्यार म्हजी कांय हरकत ना'' म्हूण सांगलां म्हळी खबर तिणें बरयिल्ली. तेवटेन तांणी आपणाल्या हॉटेल सांबाळपी भावाक ''आमगेल्या खर्चानच ताका गांवा धाडून दी'' म्हूण बरयिल्लें. तें वाचतकच रामाक अजापच जालें. 'म्हगेलें काम पळोवन, प्रामाणिकपणा पळोवन बरे तरेन वागोवचें अशें तांकां दिसलें आसत' म्हूण ताका दिसले बगर रावलें ना. ताका खोसय जाली. आपणालो वीस रुपयांचो पगार पंचवीस रुपयाचो जाल्यार उपकार जातालो अशें ताका दिसलें. ते

परस सोळा वरांचें काम बारा वरांचें जाल्यार आनिकूय बरें जातालें अशेंय ताका दिसलें. कशेंय जावं, हॉटेल मालकान रामाक गांवा वचपाक मेजून बारा रुपय दिले. "चड जाय जाल्यार तुगेल्या हिशोबांत दिवंया" म्हळें. त्या म्हयन्याचो पगार आपणें खर्च करी नासतना, घराय धाडी नासतना रामान तसोच दवरिल्लो. ताका तितल्यान समाधान जावन गांवा वचपाक भायर सरलो.

तो भायर सरता म्हणसर मय्याल्या भावान गांवांत कागद बरयलें. नरसिंवमय्यान, "आमगेल्या जनार्दनालें कागद येवन दोन दीस जाले. राम अजून घरा पावलो ना!" म्हूण नागवेणीक सांगून धाडलें. राम गांवा येनासतना नीट मद्रासा गेलो. माधवाल्या घरांतल्यांक माये मोगाचो सहवास दिलो. काम मेळोवपा खातीर खंयचे खंयचे ऑफिसा मुखार दोन दीस भोंवलो. बेंगळूर साकून भायर सरिल्ल्या एका सप्तका उपरांत गांवा येवन पावलो. उपरांत "आमा" म्हूण तोंड भरून आवयक आपोवन तिजे कडेन उलयत बसलो.

ते रातीं जेविल्लें उश्टें काडपाक तोच मुखार आयलो. "आमा, आयदन घांसचें फाल्यां, सगळें काम फाल्यां कर. भायर चान्नें पळय. हांव आयलां म्हूण तेंवूय आयलां. आवान्यार वचया. थंय बसून खूब खूब उलोवया. बरोबर व्हयोलीन घे!" म्हूण उमळशीक उकती केली.

दोगांय विचारांत आशिल्ले भशेन चलत शिट्यार येवन उबीं रावलीं. वारो कांय नाशिल्लो. पूण भोंवतण थंड आशिल्ली. "हांगाच रेंवेंत बसया, समुद्रावेळेर नाका" अशें नागवेणीन म्हळें. "जायत" म्हणत पूत थंयच उबो रावलो. आवय बशिल्ली पळोवन आपूणय बसलो. "कितें? आज पुरो जालां तुका?" म्हूण आवयक विचारलें. 'ना. तरी पूण उमेद अशी ना" म्हळळी जाप आयली.

त्या उपरांत नागवेणीन एक नविदाद सांगली. "पुता, म्हाका कांय समजना, तूं कितें म्हणटा कोण जाणा... तांणी सांगिल्ली गजाल सांगतां" म्हूण नरसिंवमय्यान आपणाक घरा आपोवन थंय उलयिल्ली खबर सांगली. "ताका आपणाली लक्ष्मी तुका दिवची अशें दिसता. शेजाऱ्यागेरची सोयरीक. एकटे दुसऱ्यांक पैशिल्लें न्हय. शिवाय 'आमगेलीं कशींय तीन चार हॉटेलां आसात, एकाची मालकी हो पळोवन घेतलो. थंयचे येणावळींतलो अर्द वांटो ताका मेळटलो. कामाक आसा अशें ताणें समजून घेवचें नाका' म्हूणय तांणी म्हळां. तुका कागद बरय म्हणटाले. पूण प्रत्यक्ष उलोवया म्हूण ओगी रावले" तिणें पुताक सांगलें.

रामान हांसत, "आमा, तुवें तांकां कितेंय जाप दिल्या?" विचारलें.

"ना."

"तुका कितें दिसता?"

"तुका ती चली मानली जाल्यार जायत. गांवांतले शाळेंत थोडी शिकल्या. आज ना जाल्यार फाल्यां तुवें लग्न जावपाकच जाय न्हय? आमगेल्या सारक्या गरिबागेर चली कोण दितलो म्हूण जावका न्हय अशेंय दिसता. पूण लग्न करून घेवपी तूं, तुगेलें मत कळळे शिवाय तांकां कसलेंच उतर दिवचें न्हय म्हूण रावली."

"आमा, चलयेचो विचार सोड. तांगेलें हॉटेल, ताजो वांटो म्हळळे आशेक हांवें लग्न जावप? 'आमगेले चलयेक लागूनच तो व्होड जालों' म्हळळें उतर फाल्यां आयकुवचें पडटलें. बरें, हॉटेलाचे मालकीविशीं विचार तितले पुरतोच करचो. तातुंतल्यान पैसो मेळटा

तो नशीब आशिल्ल्यांक. पूण एकच एक खीण सुशेग नाशिल्लें आतांचें काम पळोवन बेजार आयला. हांव थंय गेलों तेन्ना साकून म्हाका दोन तीन फावटीं तरी व्हायोलीन हातांत घेवपाक मेळ्ळां काय ना तें कळना!''

''जावं, तूं चलयेक शिकयतालो न्हय? ती कशी आसा अशें तुका दिसता? रूप सादरण आसा.''

''तिका तशीं म्हणसारकी बुद्द जावं, समजण आसा अशें दिसना. तिणें जाणट्यां कडेन उलयतना बी आयकल्लें. सदां हो दागिनो, तो दागिनो हेंच सांगत आसताली. तांणीय तिका जाय तशें तिच्या आंगार घसघशीत भांगर घालां. आमकां तसले तरेची अपुरबाय सपनांतय करची म्हळयार जमची ना. शिवाय 'आमी व्हड, हो गरीब' म्हळ्ळो विचार तिज्यांत उरलो जाल्यार तिका म्हजे विशीं आदरय उरचो ना.''

''तें खरें पुता. पूण तूं लग्नाचो विचारच नाका म्हणटा. खंय तरी बरें जातक मेळयार, बरी सोयरीक जमता जाल्यार?''

''आमा, तुका पिशें लागलां! आमकां दोगांक जेवपाची वेवस्था केले नंतरच चडावत मनीस घरांत हाडून ताजी जबाबदारी घेवपाक हरकत ना. फाल्यां संसारांत आनिकूय जबाबदारी वाडटात. म्हयन्याक फकत वीस रुपया मेजून दिसाक सोळा वरां काम करतल्याक संवसार कोणें सांगला? कोणाक ताज्यान सूख मेळटलें?''

जाय तो वेळ मेरेन दोगांय मोन्यांनी उरलीं. निमाणें रामान ''आमा, किंतें तरी वाजय'' म्हळें. आवयन सावकास व्हायोलीन हातांत घेवन, पोन्नेंच पद वाजयलें. कशेंय वाजयलें तरी तातुंतल्यान वेदना आनी कळवळोच भायर सरतालो. एकेक पद सोपतकच 'उस्स' करून उस्वास भायर सरतालो. ते जिणेंत बेजारान सगळेवटेन वडा-रुखा भशेन दांवां पसरायिल्लीं.

दोगांनी खूब वेळ मेरेन बसून वाजोवन, उलोवन, बेजार येवन तांकां झेम येवपाक लागली तशी घरची वाट धरली. दुसऱ्या दिसाच ''गेल्ल्या पावसाळयांत गोट्याचें पाखें पावसा भारान उल्लें?'' ताणें प्रस्न केलो. ''तुगेलें शिंवप! तिगलें. कशेंबशें रावलें. पूण अवंदू मात पाख्याचें पाखेच काडपाक जाय. तण, मल्लां, वांशे सगळें नवें हाडपाक जाय. धा पंदरा रुपया तरी लागतले!'' म्हळें. ''धा पंदरा रुपय म्हळयार भिवपाचीच खबर. पूण करना जाल्यार वाट आसा? करचेच'' तिणें परतून सांगलें. ''आतां आमगेली गंगा कितले दूद दिता?'' रामान विचारलें. ''गंगा, तुंगा दोगूय गाब आसात. आतां दूद जरी मेळना जालें तरी दोन म्हयन्यांनी दोगीय दूद दितलीं. पूण तेन्ना तूंच घरा आसचो ना न्हय? दोन गोरवातली एक विकल्यार जाली'' तिणे म्हळें.

त्या दिसा दनपारां नागवेणी मय्यागेर गेली. अशे तशे युक्तीन, लग्नाविशीं नकार दिवपाक जमना जावन, ''आतांच ताका लग्न करपाचो विचार ना म्हणटा'' म्हळें. मय्यान नागवेणीक खूब उपदेश केलो. ''लद्या वायट जालो कसो म्हूण जाणा? वयार आयिल्ल्या वेळार तागेलें लग्न केलें ना जाल्ल्यान म्हूण आयकलां. आतां ताका लग्नाचें वय जालें ना तर? बावीस-तेविस जाल्लें आसतलें. आनी केन्ना लग्न जावप? आतांच्या चोरडांक कळना. फाल्यां हो वयान वाडल्यार मागल्यारय कोण चली दिवचो ना. म्हाका किंतें? म्हजे लक्ष्मीक तशें वय जालें ना. आंगार भरपूर भांगर आसा. देवा दयेन घराक एक नांव आसा.

खंयच्यानय सोयरीक येतली. पूण तुगेल्या चल्यान आपणालें हीत पळोवचें नाका?'' तांणी म्हळें.

नागवेणी बेजारान घरा आयली. घरा आयली तशें सगळी खबर पुताक सांगली. त्या उपरांत दोन तीन पटी रामय धनयागेर वचून आयलो. ताजे सामखार भांगर-शिंगर घालून लक्ष्मी घुंवली, शिवाय हेर कांयच घडलें ना.

ताणें घरा येवन आतां पंदरा दीस जाल्ले. तीन चार दिसांत बेंगळूरा भायर सरपाक जाय आशिल्लें. तो विचार करपाक लागलो. ताकतिकेन गोट्याक नवें पाखें करून तो शिवनय जालो. आवयक कापड बी हाडून दिवन जालें. गडबडेंत एक दीस सुब्बीआत्यागेर धांवत वचून परत आयलो. एक रात तरी पडुमुन्नूराक काडची अशें दिसून शानभोगागेर वचूनय आयलो. ताणें तागेल्या कामाची चवकशी करची सोडून''कितें रामा, आमकां तुगेल्या लग्नाचो पायस घालपाचो विचारच ना काय कितें तुका?'' म्हळें. हाणें हांसत ''आतां कितें उणें आसा! आमकां सगळयांक सदां पायसच! आतां लग्न करून घरा येतलेक तो खावोवपाचो मात बाकी उरला!'' म्हळें.

''म्हळयार?''

''दोळया दुकां पायस ना!''

शानभोग हांसले. ''कितें, बरी नोकरी मेळपाची दिसना? तूं शिकून सवरिल्लो, मय्याल्या हॉटेलांत मानाय जावन कितलो दीस रावशी?'' म्हळें.

राम बेंगळूरा आसतनाच, आवयल्या कागदा वेल्यान ऐरोडीचो सानाजो भायर पडिल्ली खबर ताका कळिल्ली. थंय वचपाचें मात उरिल्लें. म्हणटा म्हणसर राम बेंगळूरा वचपाक भायरय सरलो.

परतून त्या शारांत येवन सदांच्या कामाक लागलो. दुसऱ्या वर्सांतलो एक दीस सोंपलो, दुसरो सोंपलो, तीन जाले. चौथोय वतलो. अशें दिस मेजपाचे काम तो करतलो. ताजें मदीं मदीं आवयक कागद वतालें. थंयच्यानय कागद येतालें. पूण म्हणसारकें कांय नासतालें. सदां तेंच तें आसतालें. कागद वतालें. तशें पळय तर चल्याक उमेद येवपाक जाय अशें नागवेणील्या कागदांत कांय नासताले. हाजे मदीं जाल्ली एक घडणूक मात ताका खोस दीत आशिल्ली.

नवरात्रीक म्हयनोभर आसतना माधवान ताका एक कागद बरयिल्लें. तीं सगळीं गांवा वचपाचीं आशिल्लीं आनी थंय चलयेचें लग्न करपाचेंय थारायिल्लें. चोरडाले इत्से प्रमाणे बेंगळूर, मैसूर भोंवन, मैसूरचो दसरोय पळोवन थंयसून गांवा वचपाक सवडीन येतात म्हूण त्या कागदांत बरयिल्लें. रामाक तशें कांय नाशिल्लें, पूण ते आयिल्ल्या वेळार आपणाक ह्या राटावळींतल्यान वेळ मेळना जायत जाल्यार कशें जावप म्हळळी चिंता आशिल्ली. दर दसऱ्या वेळार भोंवडेकारांनी शारांत येवपाचो तो वेळ आशिल्लो; हॉटेलांत चड वेपार तेन्ना जाता. मैसूरा आयिल्ले बेंगळूर पळय नासतना वचनात. आयले म्हळे नंतर तांगेल्या हॉटेलांतय ते पावतात.

मुखार कसलीय अडचण नाका म्हूण आपणाल्या धनयाकडेन हाजेविशीं पयलींच उलयलो. ''ते येतात; म्हाकाय त्या निमतान दसरो पळोवचो असो दिसता'' म्हळें. तांकां तसो राग आयलो ना. ''जायत'' म्हळें. ''तुका मैसूरा वचून पयलींच रावचें आसल्यारय

वचून राव. आमगेलें थंय हॉटेल आसा. वेळ आसल्यार तुवें थंय बसल्यार जाता. हांगचे परस थंयच चड 'रश' आसता. जमल्यार हे पटी थंय रेसकोर्सी कडेन एक टेंपररी शॉप घालचो विचार आसा" तांणी मुखार म्हळें. त्या शॉपाचो विचार रामाक पटलो काय ना कोण जाणा! पूण मैसूराक वचपाक संद मेळ्ळी तें पळोवन ताका खोस जाली.

माधव, कृष्णवेणी, आनंद, जय ही मंडळी बेंगळूरा पावता त्या घटकेसाकून तांणी मैसूर सोड मेरेन तांच्या वांगडाच रावचें अशें ताणें थारायलें.

तो सुदिनय आयलो. रामान पयलींच तांचे खातीर बिराडाचें घर पळोवन दवरिल्लें. तांकां आपोवन व्हरून थंय रावयलें. तांकां शार दाखयलें. आनंदाकडेन अंतपार ना तितलें उलयलो. त्या वेळार कोणा कडेनय उलय नाशिल्ली म्हळयार तागेली शिश्यीण जय. लजे भारान ती मोनीच जाल्ली. माधवालो व्हड चलो मात अभ्यासा खातीर म्हूण मद्रासांतच राविल्लो. माधवाक एका कारणाक लागून मात सांगचें न्हय तितलें वायट दिसतालें. "कितें करचें रामा, तुजे खातीर एक काम सोदपाक म्हज्यान जालें ना. वीस रुपया दिल्यार बी. ए. जाल्ले थंय जाय तितले जाण नोकरेर मेळटात. पंदरा रुपया घेवपी मेळ्ळे तशे ह्या वीस रुपय वाल्यांक नोकरेवेल्यान काडून उडोवपाची तांकां संवय जाल्या. हांगा तुका जेवण वचून वीस रुपय मेळटात. हे ताजे परस बरे दिसता. पूण हांगच्या वातावरणा परस तें बरें अशें दिसता. तुका जायत जाल्यार एक ल्हान काम मेळोवपाक साध्य जायत" ताणें रामाक म्हळें. "हांव मुंबय वचपाक पळयतां" रामान आपणाल्या मनांतलें सांगलें.

बेंगळूर साकून मैसूरांत तीं वांगडाच गेलीं. मैसूरचे रुंद रस्ते, बाग, इमारती ताका तशें वेगळें अशें जरी दिसलें ना, तरी बेंगळूरसाकून आयिल्ल्या तागेल्या दोळयांक खूब विस्रांती मेळ्ळी. माधवाल्या बायल-भुरग्यां वांगडा उलयत भोंवचें म्हळयारच ताका खोस जाताली. थंय वचून तो आपणाल्या धनयाले हॉटेल पळोवन आयलो. नवरात्रीचो उत्सवय सोंपलो. ताज्या दुसऱ्या दिसा माधव घरच्यांसैत मंगळूरा वचपाक भायर सरलो. तांकां पावोवन "एक दीस आराम घेवपाक मैसूरांत रावया. जमल्यार राजवाड्यार संगीत बसकेक वचून आयकुवया" अशें ताका मनाक दिसलें.

ते वटेन दसऱ्याचें प्रदर्शन आशिल्लें. तें सगळें पळोवन आयलो. चित्रकलेचो विभागय ताकतिकेन पळोवन आयिल्लो. आतां तें परतून पळोवया म्हूण गेलो. त्या दिसा सकाळच्यान सांज मेरेन थंयच पिश्याभशेन चित्रां पळयत भोंवलो. एक दोन सोबीत चित्रां पळोवन तो चित्रां-राज्यांतलीं सपनां रंगोवपाक लागलो. "हांवें कित्याक चित्रकलेंत यल करचो न्हय" अशें ताका दिसले बगर रावलें ना. मागशीं पिश्याभशेन घराचे जमनीर धरून समुद्रा देगेमेरेन काडिल्लीं आपणालीं पोत्री चित्रां ताज्या दोळयां सामखार आयलीं. प्रदर्शनाक थंय दवरिल्ल्या चित्रांत समुद्राचें एकूय चित्र नाशिल्लें. "हांवें" चित्रकलेंत यल केल्लो जाल्यार समुद्राचें चित्र काडटालों जाणकोण! तसल्या समुद्रान कोणाचेंय मन आकर्शीत केलें ना कशें?" म्हूण ताका दिसलें.

ते रातीचींय चित्रराज्यांतलीं सपनांच ताणें पळयलीं. दुसऱ्या दिसा हॉटेला मॅनेजर आनी तो दोगी जाण मेळून शारांत भोंवपाक गेले. हॉटेला मॅनेजराक घोड्या सर्तीचें पिशें आशिल्लें. 'रेसकोर्स पळोवया' म्हणत ताका घेवन गेलो. घोडे धांवतात ते कित्याक पळोवचे न्हय? आपणें तो वेळ मेरेन पळयलें ना तें पळोवया असो विचार करून तो गेलो. पूण

तिकीट घेवन, सर्तीत भाग घेवपी प्रेक्षक जावप ताका नाका दिसलें. भायर पाचव्या दोंगरार उबो रावन पैसल्यान घोड्यां सर्त पळयली. ते सर्तीन ताजेर कांयच परिणाम जालो ना तरी थंय जमिल्ल्यांचो उत्साह, मोटारींची धांवपळ हांचो मात ताजेर परिणाम जाले बगर रावलो ना.

सर्त सोंपली. हॉटेलांतलो मित्र भायर आयलो. धा रुपय होगडावन बाविल्ल्या तोंडान भायर येवपी त्या केशवाक राखत राम भायर राविल्लो. तो एक जाणट्या वांगडा येतालो. आयिल्लोच "हे कोण, खबर आसा?" म्हळें. वांगडा तोय हांसलो. राम दोगांलीं तोंडां मात पळयतालो. रामाक म्हातान्याली वळख मेळनाशिल्ली. म्हातान्याक रामाली वळक मेळना. "रामा, हे आमगेल्या गांवचे, कळळें ना?" म्हळें.

"म्हाका म्हगेल्या गांवची तशी बरी वळख ना, हांव गांवा भायरच वाडिल्लो न्हय?"

"तातूंत हे तर आमगेल्या वाड्यावेलेच" ताणें परतून म्हळें.

राम आनिकूय अजापलो. तो पळयतच रावलो.

"तुमकांय हांगेली वळख ना? तुमी फाटले लोक. हाका तुमी पळयिल्ले आसपाक जाय."

तो जाय म्हूण कितें तरी लिपोवन दवरपाक सोदता अशें दिसलें. "रामा, ग्रेट दर्बार रेस्टॉरेंट' नांवाचें हांगेलें एक हॉटेल आशिल्लें. आतां तें ना. हांव एका वेळार तांगेर काम करतालो"

रामाक जाणट्यांनी उलयिल्लीं कांय उतरां येवजलीं. "हे आमगेल्या धनयाले धाकले भाव? ओरटमय्या?" तांगेल्या तोंडा कडेन पळयत रामान विचारलें

"हय, बरोबर."

"हो कोण?" तो म्हातारो विचारलें बगर रावता? ताणें विचारलें. त्या हॉटेल मॅनेजर केशवान "हो तुमगेल्या इश्टालो चलो न्हय? राम ऐताळालो नातू ?" म्हळें.

ताका तें आयकून अजाप जालें. "आमगेल्या लह्यान मात व्होड जाल्लो हाका पळयिल्लोय नासत." ताणें म्हळें

केशवान रामाक "रामा, तुगेलो बापूय हांगेरच आसा. तांकां भोंवपाक तितलें जायना. वातान ग्हयन्यांत अठरा दीस न्हिदून उरतात. तूं तांकां पळोवन येना?" म्हळें. आपणालो बापुय त्याच शारांत अज्ञातवास काडत आसा म्हळळें तेन्ना रामाक कळळें. ताका बापायक पळयिल्ली याद नाशिल्ली. तरी पूण पळोवपाची उमळशीक आशिल्ली. एकदम "येतां, वचया" म्हळळो उत्साह दाखयनासतना "सकाळीं वचया" म्हळें.

"तूं आता बाजारात येना?" म्हूण केशवान विचारिल्ल्याक "हांगाच थोडो वेळ बसून रावतां" ताणें म्हळें. केशव आनी ओरटा थंयच्यान गेले.

रामान ओरटाक खूब पयस वच मेरेन बरें करून पळयलें. सुब्बी आत्या आनी आवय कडसून ओरटालो इतिहास ताका संपूर्ण कळिल्लो. तागेलो इश्ट आपणालो बापूय हेंय तो जाणा जाल्लो. पूण आपणें तांकां पळोवपाक वचप काय नाका? पळोवपाक गेल्लो म्हूण आवयक कळळयार तिगेल्या मनाक कशें दिसत? हे ताका सतावपी प्रश्न आशिल्ले. जाय तो वेळ तो तणा आंकरी चिमटायत, तें हुमटून दांतान ओडून थुकतालो. "कितेंय जावं, म्हगेल्या बापायक पळोवचें न्हय कित्याक? ल्हानपणांत पांच वर्सांचो आसतना पळयिल्लें

खंय. म्हाका काय ती याद जायना. आतां परतून पळयल्यार जायना?'' अशें ताका दिसत रावलें.

सांजे खूब वेळ करून तो हॉटेलांत गेलो. केशवाक धा जा मेरेन हॉटेल सोडून वचपाचें साध्य नाशिल्लें ''दुकान बंद जाले नंतर वचया'' ताणें म्हळें.

''तेन्ना ते न्हिदपाचे नात?''

''ते दोगीजाण रात-दिसांतलो फरक कळना जाल्ले'' जाप आयली.

हें आयकतकच परतून तागेलें मन विचार करपाक लागलें. थंय बसपाकय जायना जालें. तो बशिल्ले कडसून उठलोयना.

○

28

मैसूरांत श्रीरामपेठेसाकून रस्ते फुट्टात थंय एक कोनशांत देंवत्या पाख्याचें एक घर आशिल्लें. भितर एक मिणमिणपी मेणवातीचो उजवाड येतालो. गांवांत विजे दिवे आयले तरी हांगच्या लोकांनी ते भायरच दवरिल्ले. घरा भितरलें लोक म्हळयार दोगच- वणटीक तेंकून आपणालो दुखपी पांय सोडून तोंडांत विडये कुकडो धरून एकेक इस्पिकेचें पान उडोवपी लच्चा आनी ताजे सामखार ताजे परस कमी न्हय म्हळळया थाटात भाग घेवपी ओरटा. दोगूय सुमार पन्नासाची पिराय हुपिल्ले. तरी सत्तरांतले भशेन पिकिल्ले केंस, तेज सोंपिल्ले दोळे, दोळयां मुखार फणसा मावे भशेन पोल्यावेलीं हाडां. तांचे चारी वटेन, तीन दिसां थावन झाडिल्लो नाशिल्लो कोयर, पानां, सुपारे कुडके, विडये पोतां. तांगेल्या दोगांल्या खेळाचो रंग मात जोरांत आशिल्लो. दोगीजाण पांय हालयत, धुंवर धुंवडावन धुंवडावन सोडत, 'हूं, हां' असो तोंडान ताल सोडत, उलयत, खेळ खेळत आसतना भायल्यान कोणेंतरी कवडार मारिल्लो आवाज आयलो. 'हूं, आयलो काय कितें म्हाराय!'' म्हूण लच्चान म्हळें. ओरटान ''या, भितर'' म्हूण बशिल्ले कडसूनच तांकां आपयत सांगलें.

केशव आनी ताजे फाटल्यान संकोचान रामान भितर पांय दवरलो. ''हूं'' केशवाक तांणी येवकार दिवन खेळ मुखार सुरु केलो. खेळ सोंप मेरेन आयिल्ल्यांची चवकशी करची अशें दोगांकय दिसलें ना. खेळांत गुंग जाल्ले ते दुसरे पटी पानां वाटचे वेळारच उलोवपी. ते आदीं भूंयकांप जाल्यारय थंयसून हालपी न्हय हें जाणा जाल्लो केशव- ''रामा, तूं हांगाच राव. हांव आतांच येतां. ते वटेन म्हजो एक इश्ट आसा'' म्हूण सांगून गेलोच. राम पळयत रावलो; पातीं हालयनासतना रावलो. एक खेळ सोंपलो. ''हूं, आनेक खेळ सोंपोवया'' तांणी पानां पिसलीं. उलोवचे बदला खेळच सुरु जालो.

मदीं एक पटी ओरटान हेंवटेन फिरून 'केशव वचपाक गेलो?' म्हळें. इतलेंच. परत खेळ सुरु जालो. रामाक बसपाचें मन नाशिल्लें, परत वचप बरें दिसना. कितलो वेळ उबोच रावन तप करचें पडलें नकळ. केशवय बेगीन आयलो ना. तो येतलो आनी त्रासांतल्यान आपूण चुकतलों म्हूण कितलो वेळ विचार केलो तरी कांयच जालें ना. तो फातरा भशेन रावन बेजारून निमाणें ओरटामय्याकडेन ''मय्यानूं, आमगेलो बापूय आयलो ना? येवपाचो आसा?'' विचारलें. ओरटा फाटी फिरून पळोवन हांसलो. '' खेळपी हो कोण समजलो?''म्हळें. रामालो आवरो उडिल्ले भशेन जालो. पळयता तेन्नासाकून दोळयां सामकार आशिल्लें तें रुप आपणाल्या बापायलें, राम ऐताळाल्या चल्यालें म्हळळें ताका खरेंच दिसलें ना. सुब्बी आत्याल्या तोंडावेली कांत, रेखीवपण वो लक्षण खंयचेंय ताका तांच्यांत दिसलें ना.

बापूय म्हळे नंतर आतां उलयनासतना वचप न्हय अशें दिसून थंयच रावन बेजार येवन बसलो. तागेलो खेळ सोंपलो. लच्चान ओरटाक मदीं घालून 'तो केन्ना हांगा आयिल्लो खंय?

खंय आसा खंय?'' अशें असोडींच उलयलो. आपणाकडेन प्रत्यक्ष उलय नासतना आसपी तागेलें दांभीकपण पळोवन रामाक असह्य दिसलें. रामान ''हांवें येवन आठ दीस जाले. बेंगळूरांत आसां. आतां वतां'' अशें म्हणत तसोच भायर सरलो. केशवा खातीरय थांबलो ना. तागेलें आंग सगळें रागान खतखत्तालें. 'असल्या प्राण्यालो आपूण चलो जालों काय' म्हूण ताणें दोळयांत दुकां काडलीं. आपूण बापूय म्हूण पळोवपाक आयल्यार म्हजे कडेन उलयनासतना रावपाची ही रीत कसली तें ताका कळना जालें. थंय रावन, केशवाली वाट पळोवपांत अर्थ ना अशें दिसून तो नीट हॉटेलांत गेलो. सकाळ मेरेन केशव ताका मेळ्ळो ना. सकाळीं ताका रातीं घडिल्ली सगळी खबर सांगली. केशवान ''ते अशेच तरेन वायट जाले. सगळया वायट व्यसनांचें तें आगर. आज हांगा आसत, फाल्यां मद्रास, पुणें... पयश्यांचे कशें करतात कोण जाणा! तांगेले दीस कशे वतात तेंच कळना'' अशें संभविता भशेन उलयलो.

एक दोन दीस त्या शारांत रावन संगिताचे 'जलशे' आयकुपाची रामाक इत्सा आशिल्ली. पूण रातीं जाल्ल्या संतापाक लागून मैसूरच नाका अशें दिसून बेंगळूराक परतो आयलो.

मैसूरसाकून परत आयिल्ल्या रामाक धनी जनार्दनमय्यान ''कशी जाली भोंवडी? कितें कितें पळयलें?'' म्हूण सगळें विचारलें. निमाणें ''आमगेल्या हॉटेलांत गेलो ना? थंय केशव कसो आसा? दुकानांत आसता? काय भोंवत आसता?'' हेंय विचारलें.

''हांव गेल्लों तेन्ना आशिल्लो.''

''ताका रेसाकडेन पळयिल्लें अशें कोणें तरी म्हळें. तो रेसाक वचपी प्राणी जाल्यार आमकां ताजेर भरवंसो दवरप कठीण जातलें. ताजेर नदर दवरली ना जायत तर त्रास जातलो.''

राम उलयलो ना.

तो ओगी रावलो ना. ''कित्याक उलयना! तुका कांय खबर ना? आमगेलो भाव ओरटा, तुगेलो बापूय तशेच वायट जाल्ले. तेंय मैसुरांत आसात अशें आयकल्लें. केशव पयलीं तांचें वांगडा आशिल्लो. अजूनय तांचे कडेन वतेर आसा अशेंय आयकतां. केशवाक दवरिल्ल्यान म्हाका आमगेल्या मैसूरच्या हॉटेलाची काळजी जाल्या'' म्हळें.

रामाक केशवाविशीं दुबाव मारिल्लो. ताज्या दोळयां सामखारच तो घोड्या-रेसीक गेल्लो, येतना ओरटा वांगडा आयिल्लो ताका खबर नाशिल्लें तर? अशें आसूनय विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दिनासतना रावप बरें न्हय अशें दिसून बापायले भेटीचें प्रकरण सांगपाचें निमतान सगळी गजाल ताणें सांगली.

हे वटेन तो आपणाल्या कामाक लागलो. आवयक मैसूरा वचून आयिल्ली खबर बरयली. बापायलें प्रकरण बरोवपाक ताका लज दिसली.

एका सप्तका भितर नरसिंवमय्यान आपणाल्या भावाल्या पत्राक जाप बरयतना ''रामाक मैसूरच्या हॉटेलांत धाडून दी. केशवाक थंयचो हाडून तुजे कडेन दवरून घे. तागेलें रेसाचें पिशें तशेंच उरल्यार ताकाच धांवडाय'' म्हूण बरयिल्लें. ताजे दुसऱ्याच दिसा रामाक आवयकडसून ''तूं बापायक मेळपाक गेल्लो म्हूण नरसिंवमय्यान सांगलें. म्हाका कित्याक तेविशीं बरयलें ना? कितें जालें? कित्याक गेल्लो?'' म्हळें कागद पावलें. रामाक लज

जाली. आतां आवय कडसून ही खबर लिपोवची न्हय अशें दिसून ताणें तिका सगळें घडिल्लें बरयलें.

पूण आपणें मैसूरा वचून रावप म्हळ्ळो विचार ताका पटना जालो. "म्हाका थंयची जापसालदारकी नाका. हांगा पैशे चड उणे जाल्यार पळोवपाक तुमी आसात. थंय म्हजेर एकट्याचेर भार. तशें म्हाका नाका. फाल्यां हांवें वायट उतर आयकुवचें पडतलें. म्हजी आनी केशवाली दोन दिसांची वळख. ताका हांवेंच भायर घालपाक लायलें म्हळ्ळो म्हजेर अपवादय येतलो" म्हळें. धनी चड उलयले नात "आसूं, हांवच एक सप्तकभर थंय रावन कितें तें सगळें पळोवन येतां" म्हूण ते गेले. ते गेले नंतर केशवाक थंयसून भायर घालचो निर्णय तांणी घेतलो. रिकामी जाल्ल्या त्या जाग्यार रामानच वचचें पडलें

रामाक हें दुसरें काम मातय मनांत नाशिल्लें. ते मदीं तागेलो हॉटेलाचो धनी मैसूरा गेल्ल्या वेळार आनेक बरें काम ताका आयिल्लें. तो व्यवस्थापक आशिल्ल्या हॉटेला सामखार शिकिल्ल्या मनशाचें एक हॉटेल आशिल्लें. त्या हॉटेला धनयाल्या कानार रामा विशीं खबर पाविल्ली. जाय त्या जाणांनी रामाली नमळताय, विनय, प्रामाणिकपण हाजेविशीं ताजे कडेन म्हळ्ळें. तो शिकिल्लो आशिल्ल्यान हाजेविशीं ताका आपलेपणय दिसलें. ताणें कोणाकडेन तरी रामाक हळूच सांगणें धाडलें. "आमगेर रावल्यार जायना? आमी म्हयन्याक तीस रुपय दिवपाक तयार आसात" ही ती सांगणी आशिल्ली. पूण रामाक त्या जास्त पगाराची आशा जाली ना. कारण ताका गांवांतल्या घराविशीं काळजी आशिल्ली. आज फकत पांच रुपयाचे आशेन मुखाल्ल्याक सामील जाल्यार फाल्यां गांवांत आवयक रावप त्रासाचें जायत म्हळ्ळी भिरांत आशिल्ली. आतांय त्याच भंयान मनांत नासतनाय तो मैसूरा येवपाक तयार जाल्लो.

तें तशें नवे तरेचें काम कांय न्हय. 'शुची भवन रेस्टॉरंट' हॉटेलाचेंच तें काम आशिल्लें. काल मेरेन बेंगळूरांत केल्लें कामच हांगा आतां करचें आशिल्लें. यात्रिकांनी मैसूरा येवपाचो वेळ सोडल्यार हेर वेळार थंय चड वेपार नासतालो. पूण दुकानांत बसले नंतर जागो सोडून हालपाक जायना. थंय बेंगळूरांत हॉटेलाचो वेव्हार पळोवपाक धनी आसताले. आतां आपूण एकटोच जाल्ल्यान जरा भिरांत दिसताली.

तो हांगा आयलो उपरांत ताणें बसपाची खुर्ची तागेली राजधानी जावन ताका विस्रांती म्हळ्ळी ना जाली तरी मदीं मदीं खबरे पत्रां घेवन वाचत, लोकानी यो-वच करतना पैशे मेजत वेळ सारपाक लागलो.

तो हांगा आयिल्ल्या पयल्याच दिसा ताका आनेक संकट आयलें. सांजे पांच वरांचेर घडयाळा कांटो पावतनाच लच्चा खांकत येवन हॉटेलांत बसलो. रामान ताका पळयलें ना अशें न्हय, पूण फाटले यादीन ताजे कडेन उलोवपाक वो बसोवपाक गेलो ना. थोड्या वेळान लच्चा तानेक घेवन भायर सरलो. ताका खावपाक हाडून दिल्ल्या भुरग्यान 'छे आणा' म्हूण सदां भशेन 'तोंडाबील' सांगलें. तानेक घेवन भायर सरत आशिल्ल्या लच्चान खिशांतल्यान एक सिगार काडून राम बशिल्ले कडेन आशिल्ल्या एका दिव्यार पेटोवन, आपूण आयिल्लो म्हळ्ळें तागेल्या लक्षांत आसा अशें दिसतकच कितेंच जाले नाशिल्ले भशेन वचपाकच लागलो. रामाक हांसो आयलो. ताणें हळूच त्या दिसा हिशोबांत आपणाल्या खर्चात 'छे आणे' बरोवन दवरले. आपणालो बापूय पयशे दिवन गेलो ना

म्हळ्ळया परस नरसिंवमय्यालें हॉटेल पाड घालपाक आपूण आनी ओरटान मेळून 'दिल्ली दरबार रेस्टॉरंट' घालून, जिद्दीक लागून रसातळा पावलो आसतनाय, त्याच हॉटेलांत तानेक घेवपाक तो आयिल्लो ताका चड अजापाचें दिसलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं लच्चाराय येवन परतून 'छे आणे' करून गेलो. दोन तीन दीस अशेच गेले. हें आतां सदचेंच जालें. म्हगेल्या पंचवीस रुपयांतले, दर दिसा दोनूय वेळा 'छे, छे आणे' जायत गेले तर उण्यांत उणे साडेसात रुपय काडून दवरचे पडले' म्हूण ताका दिसलें.'जल्माक घाल्ल्या बापाय खातीर इतलें तरी करचें नाका!, म्हूण ताणें मनांतच हांसून म्हळें. ही गजाल कागदांत बरयली; 'रोस आसा मेरेन पिळपी घाण्याची कसली दया-माया!' म्हळ्ळी तिगेली जाप यो मेरेन एक दीस वेगळोच प्रकार घडलो. एकाच वेळार लच्चा, ओरटा आनी तीग-चार जाण वाटेवेले तांगेले दोस्त मेळून थंय तानेक घेवपाक आयले. ओरटान जाय तें खावपाक मागोवन इश्टांक दिलें. खावन बी जातकच 'सीझर्स' म्हळें. एक पाकीट सिगारां आयलीं. त्यो अर्द सोंपमेरेन सगळे खबऱ्यो मारत बसले. उपरांत उठले. बील सांगप्यान 'सवा रुपिया' म्हळें. सगळया मुखार आशिल्लो ओरटा फाटल्याकडेन बोट दाखोवन देंवन भायर गेलो. फाटले सगळे रामाकडेन पिटीपिटी दोळे करून पळयत गेले. थोड्याच दिसांत 'छे आणे' आनी 'सवा रुपिया' बी मेळून पंद्रा-सोळा रुपयां परस चड जाले. रामाक त्या दिसा सांजे खूब वायट दिसलें. दणदणा भोगपी आवय खातीर आपूण हांगा गुलामींत दीस काडत आसतना, ताजें फळ तिगेल्या तोंडांतल्यान काडून घेवन, दयामाया नाशिल्ल्या वागाक दिवप ताका बरोबर न्हय अशें दिसले. दुसऱ्या दिसा साकून "बापायपुरतेच आसल्यार ते आंगार घेवप, ना जाल्यार मन घट्ट करचें पडटले" म्हूण ताणें थारायलें. ह्या आठ दिसांत तागेली बापायक पळोवपाची आदलीं उमळशीक ना जावन त्या जाग्यार ताजे विशीं उबगण दिसपाक लागिल्ली.

दुसऱ्या दिसा हें प्रकरण वेगळेच तरेन सोंपलें. ओरटा आनी लच्चा सकाळीं तानेक घेवपाक हॉटेलांत आयले. खावपाचें सोंपोवन, सिगार ओडून 'छे आणे' करून भायर सरले. ते आपणाल्या मेजाकडसून कांय दिनासतना वतात तें पळोवन रामान "स आणे" म्हूण मान सकल घालूनच म्हळें. त्या उतरान ते थांबले नात. दोगूय आयकले ना भशेन मुखार वतात तें पळोवन "तांकां आपय. हांगा पैशे दिले नात" म्हूण रागान ताणें म्हळें. पयलेच फावटीं तागेले दोळे व्हड जाल्ले, गळो ताणशेल्लो. पोरान तांकां थाबयले आनी आपोवन हाडले. ओरटान आपणाली अब्रू काडिल्ले भशेन "पळेयात लोकांनो हांगा! आतां कालचीं पोरां. हो हागेलो बापूय. बापायक एक थेंब भर काफी पिल्यार थांबोवन पैशे घेवचे दीस हें!" म्हणत तागेलीं फकाणां केलीं. तागेल्या आवाजान थंय आशिल्ल्या सगळयांचे दोळे रामाचेर थिरावले. तांकां तांतलें कांयच कळ्ळें ना. हांचे कडेन उलोवपांत अर्थ ना म्हूण रामान हॉटेलांतल्या भुरग्यांक "फाल्यांसाकून त्या दोगांकय हांगा कांयच दिवचे नात. कळ्ळें? मुलाजो बी धरनाकात" म्हळें. ओरटा आनिकूय रागार जावन "पुता, तुवें जल्माक आयिल्लें सार्थक जालें" म्हणत ताका दुशण दिवन गेलो. थंय आशिल्ले तांचे तांचे भितर फिसी फिसी उलयले. लच्चा ह्या रामालो बापूय म्हळ्ळें तांकां कळ्ळें. ताका लागून रामाक आपणालो अपमान जालोसो दिसलो. ते रातीं ताणें दोळया पाती म्हूण लायली ना. फाल्यां सकाळीं कसलें प्रकरण उदेता कोण जाणा. ते अब्रू सोडून जगपी लोक, आपणालो अपमान

करपाक ते कितेंय करतीत अशें ताका दिसलें. सात, आठ, साडेआठ, णव.. अशे तरेन तागेलें लक्ष तास आनी मिनिटां कांट्याकडेन घुंवतालें. पूण आदल्या दिसाच्या वादाक लागून ओरटा परतून थंय पावलो ना.

रामान सुटकेचो उसरो सोडलो. त्या दिसा रातीं ताणें "छे, छे आणे" च्या झुजाविशीं आवयक कागद बरयलें. "आमा, सगळयां मुखार त्या पुण्यवंतालो हांव पूत म्हणून घेवपाचें म्हाका नाका आशिल्लें. तरी पूण जल्म दिल्ल्या बापायक तो अधिकार ना कशें म्हणप?" ताणें बरयिल्लें.

त्याच सुमाराक राम-लच्चाल्या झुजाची खबर हॉटेलांतल्या कोणें तरी चाडयाळयान बेंगळूरच्या धनयाक कागद बरोवन कळयली. ते आयले. पूण बापायन खावन हॉटेलांत केल्ल्या बिलाचे सगळेच पैशे आपणाल्या हिशोबांत रामान बरोवन दवरिल्ले शिवाय धनयाक लुकसानेंत घालें नाशिल्लें पळोवन "कितेंय जावं, पूत बापायल्या वळणार सामकोच गेलो ना. कितलोय भरवंसो ताजेर दवरल्यार जाता" म्हणत ते समाधानान गेले. आतां असमाधान मळळें तें फकत रामाक मात आशिल्लें. ह्या कामाचीच ताका उबगण आयिल्ली. फुरसद नाशिल्लें गुलामपण, आवडनाशिल्लें काम, शिवाय आवयकडसून कितले दीस पयस रावचें पडत म्हळळी चिंता आशिल्ली हालीं हालीं नागवेणीन "पुता, हांगची सांवळी म्हाका आतां स्वर्गा भशेन दिसता. मांवाली याद म्हाका जायत आसतली तो मेरेन हांव हें घर सोडची ना. तांकां पुताचेर भरवंसो जरी नाशिल्लो, तरी मरतना ते म्हगेलें तोंड पळोवन रडिल्ले. म्हजे जिणेंत आनी खंयचोय पुरुषार्थ जरी म्हज्यान जालो ना, तरी मांवाले रीण आनी तांचें मायेमोगाचें देणें सांबाळिल्लें भाग्य तरी म्हाका मेळपाक जाय.तांणी म्हज्या हातांत घर दिवन चूक जरी केल्ली आसली, तरी हांवें तें सांबाळचें काम करचें नाका?" म्हूण बरयल्लें.

रामाक मुंबय वचपाची चड उमळशीक लागिल्ली. "आतां नोव्हेंबर आयला. डिसेंबरात थंय उडी मारचीच अशें ताका दिसलें. आतां मेरेन शंभर रुपयां परस थोडे उणे दुडू एकठांय जाल्ले आसत. थंय भोंवन पळयतां. नोकरेचो योग आसल्यार, बरे उत्पन्न जाल्यार थंय रावचें. कशेंय तरी हें आवयक पटयतां" म्हूण घटका घटका मेजत बसलो.

डिसेंबर मेरेन राखून दवरिल्ले सगळे शंभर रुपय जावपाचे नात. आवयक थोडे थोडे पयशे धाडपाक जाय न्हय? तरी पूण आपणाली इत्सा मारची न्हंय म्हूण मुंबय वचपाचें ताणें थारायलेंच. आतां सगळयांत त्रासाचें काम म्हळयार धनयाक तें समजावन सांगपाचें आशिल्लें. आपूण कांय दिसांनी काम सोडटलों म्हूण आवय कडसून नरसिंवमय्याक कळयलें. तांचे कडसून भावाकय कागद बरोवपाक लायिल्लें. जनार्दनमय्या बेंगळूरसाकून येवन "तुवें वचपाचें कारण कितें? जेवण, खाण वचून पंचवीस रुपय पुरो जायनात?तुगेल्या जाग्यार दुसऱ्याक हाडून दवरपाक सट्ट करून कशें जातलें? तूं उरतलो म्हळळया भरवंश्यार केशवाकय धांवडायलें" म्हूण खूब उलयले. आपणाक दीसभर अशें काम करपाची इत्सा नाशिल्ल्यान आनी आवय वांगडा बिराड करपाक साध्य जावपाक जाय म्हूण आपूण वतां, हाचे शिवाय आपणाली तांचे विशीं कसलीच तक्रार ना म्हूण रामान तांकां सांगलें.

क्रिसमसा खातीर वचपी लोकां जम्यांत तोय एकटो जालो. गाडयो कचाकच भरून

आशिल्ल्या लोकांवांगडा, दोळया पार्ती धांपपाचींय संद दिनासतना तो मुंबय प्रवासाक भायर सरलो. वचचे आदीं मद्रासा कागद बरोवन, माधवा कडसून मुंबयच्या कांय इश्टांक कागद बरोवपाक लायिल्लें. आपणाल्या एक इश्टाकय कागद बरयिल्लें. मुंबै शारातलीं घरां, देवळां, मारग, लोक बी पळयतना मद्रासापरस बरें दिसलें. ह्या लोकांत येवन आपणें रावप म्हळयार, आपणाल्या गांवचे समुद्रा वेळेर पसरिल्ल्या रेंवे कणांभशेनच आपणाली गत जातली अशें ताका दिसलें. आपुण तसो साप्पच बाबत न्हय म्हळें तो जाणा आशिल्लो. अशा वेळार असल्या विचारान ताका निराशा कशीं जायत? तितल्या लोकांक पोटाक दिवरी हें शार पोटा खातीर नोकरी सोदत आयिल्ल्याक वाट दाखयनासतना कशें रावत? आपणाल्या गांवांतले हांगा कितले जाण नात, अशें ताका दिसलें.

दादर रेल्वे स्टेशनारच मारुती मैसूरसाकून येवपी रामाली वाट पळयत राविल्लो. एकट्याक दुसऱ्याली वळख नाशिल्ली. तांच्यांत पैसल्लें नातें वो जातीचें नातेंय नाशिल्लें. माधवान मद्रासांत काम करच्याच्या रंग विकपी कंपनींत, मुंबयच्या ऑफिसांत मारुती काम करतालो. तांतले तातूंत मारुती दक्षीण कन्नड भागांतलो. हाका लागून माधवाल्या त्या इश्टान रामाक आत्मीयतेचो येवकार दिलो.

मारुती ताका घेवन आपणाल्या बिराडार आयलो. दोगी जाण माटुंगा मेरेन चलत गेले. एक मानाय तागेलें हातुळण आनी ल्हान पेट घेवन फाटल्यान चलतालो. माटुंगांत एके इमारतीची माळी चडून निमाणें एका ल्हान कुडा सामखार दोगूय जाण पावले. कवड काडलें. सामखार रामाल्या घरांतले चौकी येदोय जागो नाशिल्लो . तातूंत रांदची कूड, न्हाणी आनी ऑफीस आशिल्लें. दोगूय जाण भितर गेले. "आतां हांगा म्हगेलें बिराड ना. घरा धाडलां. म्हगेलो एक चलो मात आसा. आनेक चलो आनी तागेली आवय गांवा गेल्यांत. तिका म्हयने जाल्यात. आमी आतां डब्यांतलें जेवण हाडटात. कसलोच मुलाजो धरि नासतना आमचे बरोबर खा" चड व्हडपण दाखयनासतना मारुतीन रामाक सांगलें.

त्या दिसा धरून आनी कांय दीस तरी आपणाक रावपाक जाय आशिल्लें बिराड ताणें पळोवन जाल्लें. मारुती वांगडा खर्चांत वांटो घेवन कांय दीस काडपाक हरकत ना अशें ताका दिसलें. ल्हान जालें तरी निवळ आशिल्ल्या बिराडांत अडचणेन रावपाक शिकिल्ल्या मारुती भशेन रामय रावपाक शिकपाक लागलो. हाजे खातीर मारुतीन पयल्या दिसा रजा घेतिल्ली. दुसऱ्या दिसा साकून सकाळीं धा वरांमेरेन मारुती ताज्या वांगडा उरतलो. उपरांत परत तागेली सांजे भेट जातली. मारुतीलो व्हडलो चलो कृष्णवेणील्या आनंदाभशेन आशिल्लो; पूण ताजे परस इल्लो ल्हान आशिल्लो. तो मुंबयंत शाळेक वतालो. अशे तरेन बापूय आनी पूत भायर गेल्ल्या वेळार रामच घर राखतालो.

आयिल्ल्या दिसा रामालें जेवण जाले नंतर मारुतीन तो आयिलें कारण पयलींच जाणा जाल्ल्यान "म्हाका हांगा चड वळख ना. आमगेली जीण म्हळयार ह्या कुडा इतलीच आसपाव आशिल्ली. ऑफिस आनी घर हांचे मदेंच हांवें धांवपाक जाय. आयतार आसतना एकदोन इश्टांलें तोंड पळोवपाक मेळटा. उरिल्लो वेळ ह्या जनसमुद्रांत तगून उरतात म्हळेंच समाधान. तुमी एक काम केल्यार जाता. हांगा वयले माळयेर एका कुडांत आमगेल्या गांवचे कांय जाण इश्ट रावतात. सगळे खंयचे ना खंयचे कामाक आसात. कांय जाण काम नाशिल्लेय आसात. तांतले कोणय संवसार आशिल्ले नात. काम सोदपीय

आसात. खंय गेल्यार तुमचें काम जावपाक शकतलें तें सांगपाक शकतले'' म्हूण सांगलें.

राम उलयलो ना. ताजें आयकुपाचें तितलें काम आशिल्लें. नवें शार, कांयच खबर ना. तो आपणाली इत्सा पूर्ण करपाक आयिल्लो. नशिबाची परिक्षा घेवपाक जाय न्हय?

त्याच दिसा राती मारुती रामाक घेवन वेले माळयेर ''फ्रेंड्स रूम'' म्हूण समाजवाद्यां भशेन पाटी लायिल्ले एके खोलयेंत गेलो. संसार आशिल्ल्या मारुतीले खोलयेंक आनी संवसार नाशिल्ले ते खोलयेंक खूब अंतर आशिल्लें. चार वणटी आसात म्हूण ''फ्रेंड्स रूम'' म्हळें नांव ताका सोबतालें. ना जाल्यार तें एक प्राणी संग्रहालयच कशें दिसतालें. ते पाविल्ल्या वेळार थंयच्या स-सात जाणांतले तीग जाण हातुळण घालून न्हिदिल्ले. दोगजाण राजकारणाचेर उलोवपांत गुंग जाल्ले. एकटो गायतालो. आनेकटो मारगार उजवाड फांकत धांवपी मोटारां मेजतालो. मारुतीक पळोवन एकट्यान 'हॅलो' म्हळें. ''हे आमगेल्या गांवचे म्हजे इश्ट, आमचे भशेनच मुंबयची जीण जगपाक आयल्यात. हांगेलो मावसो म्हगेलो इश्ट. हाका लागून आमगेली वळख जाली'' अशें म्हणत शंकरराय म्हळ्याक उलो मारून ''पळय, हो तुगेल्या खास चार्जांत आसतलो'' म्हळें.

न्हिदिल्ल्या शंकरान, अर्द उठून, आडवोच रावन थंयसूनच सिगार पेटोवन, तांकांय एक सिगार दिवन तांका बसपाक सांगलें. उपरांत मारुतीन ताजे कडेन ''कितें, तुमगेल्या पद्मनाभाक काम मेळ्ळें? मिट्सुयित गेल्लो न्हय?'' म्हूण विचारलें.

''तांकां चाळीसां वयर पगार दिवपाची इत्सा ना'' शंकरान म्हळें.

''तो ग्रॅज्युएट न्हय?''

''ग्रॅज्युएटाल्या बापायकय तितलोच पगार. आतां मुंबय शार मद्रास जालां.''

मारुतीन शंकराकडेन ''पळय सायबा, हांगेलें बाबड्यांचें गरीब कुटुंब. आशेन आयला. हांवें तशी चड कांय आशा दाखयली ना. पूण आमच्यान जाता तो यत्न करपाक जाय'' म्हळें. तितल्यार त्या दिसाचें उलोवप 'गुड नाइट' म्हणत सोंपलें. रामान वचपा वेळार शंकरान ''तुमचें नांव कितें?'' म्हूण विचारलें.

''राम.''

''वॉट राम?''

''रामराव, राम ऐताळ, कशेंय म्हणा.''

''बरें रामराव. हांगा सदां येत रावात. तुमकां कितें तें कळटलें.''

त्या दिसा साकून वेळ मेळ्टा तेन्ना, काम नाशिल्ल्या वेळार त्या फ्रेंड्स रुमाचो तो वांगडी जालो. मारुतीगेर तांगेली मंडळी आयल्या उपरांत आपणेंय त्या इश्टांतलो एकटो जावपाचें अशें ताणें येवजिलें.

हांचें कितें सांगप! एकमेकां वांगडा बरे आरामांत आनी खोशेन ते रावताले. सगळे जुवान, तरनाटे. शिक्षण सोंपोवन मुंबयंत काम सोदपी कांय जाण आशिल्ले. तीन-चार म्हयन्याच्या तात्पुरते कामाक लागिल्ले थोडे जाण. पंदरा-पंदरा दिसांनी काम बदलावन पळोवपी कांय जाण आशिल्लें. 'आता भोंविल्लेंच पुरो जालें' म्हणपी कांय जाण आशिल्ले. पूण सगळयांचें एक धेय वाक्य आशिल्लें ''कॅपिटेलिजम् गेल्या बगर हिंदुस्थानाक बरें जावपाचें ना'' म्हळें. हें एकच तांकां एकठांय हाडपाचें समान ध्येय आशिल्लें.

रातभर बिर्लाक जावं, बजाजाक जावं, वालचंदाक जावं, हरुनाक जावं एक सारक्यो

गाळी घालप हेंच तांगेलें काम जाल्लें. सकाळ उदेतकच अर्ज घेवन 'करीमभायगेर काम आसा? मिट्सुयी जायत न्हय? किलिकनिक्सन बरें आसत? आर्मी आनी नेवी?' म्हणत एका फाटल्यान एक बँक, इन्शुरेन्स बी ऑफिसांत जागे रिकामे आसात काय तें पळयत, सोदत भोंवताले. तें चार दिसांचे काम आसल्यारय ताजे खातीर ते सगळेच यत्न करताले. ते आठ जाण तीन डब्यांत जेवण हाडून जेवपी जाल्ल्यान पळोवपाकय ते सामान्य मनशा परस आठांतल्या तीन भागा येदेच दिसताले. जेवणा परस तांची चा-काफी चड जाताली. मॉस्कोंतले प्रमाण सामुदायीक पद्धतीन ते चा-काफी करताले. तांची एकच "लग्झरी" म्हळयार सिगारेट आशिल्लें. मुंबयचे हवेक ती जायच म्हळ्ळो सिद्धांत तांका खूब दिसां आदींच होलमल्लो.

तांचें आंगाचें कितें सांगप? तेंय बरें रंगरंगयाळें आसतालें. हेंविशीं एकट्या परस आनेकटो वयर. सांजे ऑफिसाचो वेळ सोंपलो तशे सगळे जाण खादी, कुडता घालताले. सगळयांचे पठाणा भशेन पायजमे आसताले. सकाळीं ऑफिसाचो वेळ जालो तसो बूट, पँट, हॅट हांकां ब्रश बी मारून भायर सरताले. रातीं बंदखणींतल्या कैद्यांभशेन उण्यांत उणे कपडे आसताले. ते इतल्या सुखासमाधानान जगताले ते पोटभर जेवतात म्हूण न्हय, तर फकत उतराचेर. तेंवय संसारांतल्यान कॅपिटेलिजम ना जाल्या उपरांत येवपी भांगरा युगांवेले कल्पनेचेर ते जगताले. त्याच गोड सपनार, तांच्या वांगडा मेळून मिसळून रावप रामाक त्रासाचें जालें ना. मुंबयंत जगपी खंयचाय काम नाशिल्ल्या तरनाट्याक समाजवादी जावन तांबडो रंग येवपाक तीन सप्तकां परस चड वेळ लागना. राम तर थंय येवचे पयलींच तांबडो जाल्लो.

एक दोन सप्तकांत शंकरा वांगडा राम जाय त्या ऑफिसांतले बोर्ड पळोवन आयलो. शंकरान "रामराव, हे मुंबयंत ट्राम, ट्रेन दोनूय नासताले जाल्यार त्याच खर्चांत तीन म्हयनें काडपाक जाताले. प्रत्येक पटी 'नो वेकन्सी' वो 'सॉरी प्लीज' म्हळळें पद आयकुपाक चार आणे ट्रामेक दिवपाक जाय. म्हयन्याक चड-उणे आठ रुपया दिवन हीं अवलक्षण उतरां आयकुपाक जाय. म्हाका म्हयन्याक फकत वीस रुपय गॅरंटीन मेळटात जाल्यार आतां भशेन मुंबयंत कायम रावपाक हरकत ना. पूण त्या विसांतले आठ ट्रामेनच खाल्यार कशें जायत?" म्हळें.

शंकर पोरणो मनीस. ताणें मुंबयंत येवन सात वर्सां जाल्लीं. त्या तितल्या काळांतलो अर्द काळ ताणें ऑफिसा भायरच काडिल्लो. कामार आसतना मेळयिल्ल्या पैशांतल्यान काम नाशिल्ल्या अर्द काळांतलो खर्च ताणें करचो पडिल्लो. तागेल्या "फ्रेंड्स रुमांतल्या" वांगड्यांक कोणाकय इतलो चड अणभव नाशिल्लो.

आपणाक निराशेन परत येवचें पडिल्ल्या सगळया जाग्यार शंकर रामाक घेवन वचत आशिल्लो. आपूण झगडून काम सोडून आयिल्ले कडेनय ताका व्हरतालो. थंय आयले नंतर घेतिल्ले बूट, पँट बी घालून रामय बरे भावनेन वेगवेगळ्या ऑफिसांत वचून अवलक्षणाचीं उतरां आयकून घरा येतालो.

शंकराक आतां एकच एक 'होप' म्हळयार सिनेमा! तो सिनेरियो बरयतालो. बरोवन बरोवन सिनेमा कंपनीक धाडून त्यो परतून आयिल्ल्यो घेतालो. एकेक खेपेक, तागेलीच काणी वाचून तयार केल्लें चित्र पळोवन, तांगेल्या फटींगपणाचो राग येतालो. हेंच तागेलें

आतां मुखेल काम जाल्लें. ताका मुंबय, कलकत्ता बी शारांतल्या सगळया सिनेमा नटयांकडसून पत्रां आयल्यांत. ताणें आपणाल्या अभिनयाचे जाय ते फोटो तांकां धाडल्यात. पूण एकूय डायरेक्टराक आपणाली योग्यताय समजून घेवपाची बुद्द जाली ना म्हळळीच ताका खंत आशिल्ली. ''फ्रेंड्स रूम'' च्या हातांत अधिकार आयल्यार, स्वतंत्रताय मेळळी तशी सुळार चडोवपाक जाय म्हूण ज्या कॅपिटेलिस्टांचीं नांवां काडल्यांत तातूंत सिनेमा डायरेक्टरांलींय नांवां घालपाक जाय म्हळळो थाराव एका आवाजान पास जाल्लो. पूण 'पांच-स हजार पगार खावपी सिनेमा नटयांक कितें करप?' म्हळळें मात थंयच्या जुवान वीराक कळनासतना ते ओगी आशिल्ले. तितलो चड पगार घेवपी नटयो कांय काळांत कॅपिटेलिस्ट जातात. पूण बायलांचेर हात घालप बरें न्हय म्हूण ते तांचेविशीं खंयचोय निर्णय घेनासतना रावले. शिवाय त्यो नटयोय हांचे भशेन आंकवारच आसात म्हळें नंतर हांचो प्रस्न चडच कठीण जाल्लो.

रामाक ही फ्रेंड्स कूड म्हळयार जिणेंतल्या विरक्तीचे विडंबनशें दिसतालें. थंय संकुचितपण, आळसाय, हुतहुतेपण जें दिसतालें, तें जुवानपण निराशेन हालोवपी बेकारपणाचेंच फळ आशिल्लें हें ताकाय होलमल्लें.

राम तांच्या मंदिरांत पयल्या दिसा आंगार सादेच कपडे घालून गेल्लो. नोकरीचे शिकारेक जाय ते बूट, पॅट, कोट तयार जावपाक तीन दीस लागले. ते घालतना ताका लज दिशिल्ली. तसोच फ्रेंड्स रुमांत शंकराक तो मेळपाक गेल्यार थंय हाहाकार जाल्लो! ''रामू... रामराव, सांगतां म्हूण रागार जावं नाकात. हें घाल्ल्यान तुमी सामकेच सिनेमा स्टारशे दिसतात! ही- स्टार! तुमकां थंयच खरो 'चान्स' आसा. असली सोबीत 'पर्सनेलिटी' आमकां आसताली जाल्यार तेन्नाच मिस् सुवर्णा देवील्या गळयाक आमी वेंग मारतले आशिल्ले'' म्हळें. ''पूण रामराव सोबीतकाये वांगडा आनेक योग्यताय लागता. तुमकां 'किळांच' कळपाक जाय.''

''किळांच कळपाक जाय!'' हाजो आर्थ रामाक कळळो ना. ''तशें म्हळयार कितें?'' ताणें हांसत विचारलें.

''म्युजीक! रामराव प्लस् म्युजीक इज इक्वल टु ए वन् सिनेमा स्टार!'' तांच्यांतलो सिनेमांत तकली चड आशिल्लो गंगाधर उलयलो. तो वेळ आपणालें संगीत प्रदर्शन करपाचो न्हय म्हूण राम ओगी रावलो.

त्या उपरांत दिसाक एक पटी तरी गंगाधर ताका ''आज अंधेरी वच. आज आनेक स्टुडियो पळय'' असो उपदेश करतालो. गंगाधर उमेदींत आसतना सिगाराचें पोंत मदीं मदीं ओडत 'तुमने मुझको प्रेम सिखाया' म्हणटालो. मदीं मदीं सिनेमांतल्यो खबरो ते सभेक तोच पावयतालो. ''मिस्टर, आज एक नवी खबर आसा. ती ब्लडी मिस् चंद्रकांती खऱ्यानीच चार भुरग्यांची आवय खंय! तिणें म्हज्या कागदाक जाप दिली ना ताजें कारण हें! तितलेंच न्हय, म्हजो फोटो धाडून दिवनय तिणें एक पद्धत म्हण तरी आपणालो फोटो धाडचो आशिल्लो. तो धाडलो ना!'' म्हूण सांगतालो. सगळे जाण हांसून तागेले निराशेंत वांटेकार जाताले.

एक दीस तो येवन ''शंकर, गुड न्यूज टुडे! तुगेली सिनारियो घेवन स पटीं अंधेरीक वचपा सारकें केल्लें न्हय, तो डर्टी डायरेक्टर नखोराम आसा पळय, ताणें आशिल्ली कंपनी

"सेंट्रल आर्ट प्रोडक्शन्' लिक्विडेशनाक गेली खंय! हांवें आयकल्ली खबर खरी जायत जाल्यार हे मुंबयंतल्यो सगळयो प्रोडक्शन् कंपन्यो दिवाळे जावन आनी वीस वर्सांत एकूय एक कॅपिटेलिस्ट म्हळ्ळो प्राणी उरपाचो ना."

हीं गोड उतरां, राजकीय तत्त्वांमदीं सिगाराच्या धुंवरावरी ल्हवूच उबत आसतालीं. मदींच 'बजावो प्रेमकी बांसरी' पदय गंगाधराल्या तोंडांतल्यान भायर घुंवतालें.

एक दीस उलयतना गंगाधर आनी शंकर दोगांकय हुकी आयली. गंगाधराक बरो आवाज आशिल्लोच, पूण रुप मात नाशिल्लें. पूण हें ताजें मत न्हय. एक कॅपिटेलिस्ट सिनेमा डायरेक्टरालें मत खंय! हें उलयतना येवजल्ल्यान शंकरान "ह्या गंगाधराल्या गळयार रामरायालो मुसडो दवरिल्लो जाल्यार आमगेल्या फ्रेंड्स रुमाक म्हयन्याक उण्यात उणे दोन हजार रुपय तरी येताले. अशें जायत जाल्यार रामू, आमकां प्रत्येकट्याक दोनशें पन्नास रुपय सरासरी पगार मेळिल्ले भशेन जातालो न्हय!" म्हळें.

रामाक ह्या उतराचो अर्थ कळ्ळो ना.

"कितें म्हळें?" ताणें विचारलें.

"गंगाधराक ताळो आसा. तुमकां सोबीत रूप आसा. हें दोनूय एकठांय जाल्यार तुमी सिनेमा स्टार जाता आशिल्ले म्हळें."

"म्हाका ताळो ना!" रामान म्हळें.

"तुमगेलो ताळो-गळो घेवन कितें करचें? ताका गोळाक लावप? सिनेमांत बरो किळांच मारपी गळो जाय. फकत गळो न्हय! आमगेलो गंगाधर म्हणटा तशें. 'किळांच मारपी' गळो जाय. तुमकां संगीत म्हणपाक कळटा? "तुमने मुजको प्रेम शिकाया!" कळपाक जाय, म्हळयार सिनेमा जाता."

सगळे खो करून हांसले. रामय मातसो हांसलो. "हांव गायतां. पूण किळांच मारना. सिनेमांत घोड्यांचो मोग करतना किळांच मारपाक जाय खरी."

शंकराक जरा अजाप जालें. "कितें राम, तुका संगीत येता? कसल्या प्रकारचें? तमीळचें तरननन...? रेल्वेवेलें अंडीरंडीऽऽ? काय गवयांचे रेनेनानाऽऽ..."

गंगाधरान "रामू गायता? कसलें गायन तुगेलें? गुणुगुणू करचें? काय येयेयय्यय्या असले तरेचे?"

"म्हजें एके तरेचें संगीत. तोंडा परस व्हायोलीन वाजोवपाचें म्हाका बरें कळटा. पूण "तुमने मुजको क्षाम दिखाया" मात हांव वाजयना."

रामान सुरवेसाकूनच सिनेमा पदांकडेन लक्ष दिलें नाशिल्लें. तागेले खोलायेचे मनोवृत्तीक फकत संगीत शास्त्रांतल्या रागांची घासाघाशी करप, तिडावप हांतल्यान पूर्ण समाधान मेळनाशिल्लें. अशें आसतना ह्यो प्रेमाच्यो किळांच्यो ताका कशो आवडतीत?

त्या दिसा सांजे तागेलें उलोवणे कृतींत आयलें. रामाक पद म्हणपाक लायनासतना कोणच सोडपाचो नाशिल्लो. रामाक गायन कळटा जाल्यार हांगाच "कम्युनल स्कूल ऑफ म्युजिक" काडचें म्हळ्ळी शंकराक इत्सा जाली. माटुंगा सगळे वयर सकल करून रामा खातीर एक व्हायोलीन हाडपाक जाय जाल्यार राती धा वरां जावन गेल्लीं. तें हाडचे एक खीण पयलीं गंगाधरान "ऑर्केस्ट्रांत तंबोरो, व्हायोलीन असल्या रडव्या वाद्यांक स्थान नासता. तें सगळें संगिताक फाटल्यान सूर दिवपाक शिवाय मुखेल वाद्य म्हूण आसनात"

असो आपणालो निर्णय दिल्लो. तो ते माळेवेलो सगळयांत बरो आर्ट क्रिटीक आशिल्लो.तो आपणाली खोलीच पॅरीस शार आनी त्या शारांतलो आपूण व्हड कलाविमर्शक म्हूण समजतालो. तागेल्या खंयच्याय निर्णयांत दुबाव वो अर्दवट मत अशें आसच नाशिल्लें.

ताणें हो निर्णय सांगिल्ल्या एका खिणांतच रामाल्या हातांत व्हायोलीन पावलें. राम तेन्ना हांसतालो. गंगाधराले निर्णय आनी उलोवप तागेल्या कानाक आयकुपाक बरे लागताले. पूण त्या उतरांत अर्थ आसूं वो नासूं, पिशेपण मात उपाट आशिल्लें.

तशेंच हांसत, रामान व्हायोलीन उखलून घेतलें आनी ताज्या तंतूंचेर एकदोन पटी धनू ओडलो. उपरांत तो परतून ओडलो, थंयचे थंय धांसलो, लांबय ओडलो. त्या वेळार तागेलो हात पळयत रावपा सारको आसलो. तें व्हायोलीन न्हय सतार, सतार न्हय जलतरंग. तें हांतलें खंयचेंच न्हय आनी कितेंय तरी म्हळळे भावनेन तागेलीं बोटां नाचतालीं.

तागेले इश्ट अजापान हांसत रामालो माकडा खेळ पळयताले. तागेल्या व्हायोलीनांतल्यान गोड आवाज सावकासायेन भायर सरत चोंय वटेन घुंवतालो. पाशाणार उडी मारपी वझऱ्याभशेन पडत, ओतत तो आवाज हांसतालो. तो तसोच वाडत, प्रवाहा भशेन पसरत मुखार वतालो. सुखदिणी झर खंय तरी उफेवन आपणाल्या आवाठांत आसपावनासतना ओतून व्हांवपी न्हंये भशेन तागेलें संगीत व्हांवतालें.

अशें तरेन व्हांवन, पसरून ओतून, हांसून एकदम तें शांतय जालें. तेन्ना भोंवतणी बांदिल्ल्या तळयांतल्या उदका भशेन आवाज देंवलो. राग लहरी संथ जाली. हांसो फुलोवपी गर्भांत कसलें तरी दुखणें धांपून दवरलां अशें दिसलें. राम अर्द धांपिल्ल्या दोळयांनी धनु पळयतालो.

दुसऱ्याच खिणांत तागेले हात रागा भरान हालिल्ले भशेन जाले. भितर बांदून दवरिल्ली सगळी वेदना, वेगवेगळया मुखांतल्यान उज्या-जिबे भशेन भायर पडून जीण जशी लासता, ते भशेन राग-लहरी असंख्य आलापान उसळून घुंवघुंवली. असो नादस्फोट जातकर मरण जशें जिणेचो अंत घडयता तशा एकूच एका दीर्घ रागालापान त्या गायनाचो अंत घडयलो.

राम वाजोवपाचें थांबोवन थंयसून उठलो. नीट वचून आपणाले खोलयेंत न्हिदलो. तो परत येतलो म्हूण तागेले इश्ट जाय तें वेळ मेरेन वाट राखत बसले. एकदोग जाण ताका सोदपाक भायर आयले. मारुती बसून वाचत आशिल्ले. पूण राम न्हिदून पडिल्लो.

त्या दिसा संगीत आयकल्ले कोणय ते विशीं उलयले नात. "हांवें अजून मेरेन असलें संगीत आयकलें ना. तें आमगेले जिणेंतलें विडंबन उकतें करताले" म्हूण शंकरान मात म्हळें.

हें घडिल्या उपरांत रामा मुखार गंगाधरान "तुमने मुजको...' हें पद केन्नाच म्हळें ना. इतलेंच न्हय तर राम येता असो दिसल्यार सगळे जाण गंगाधराकडेन पळोवन "तुमने मुजको क्षाम दिखाया" म्हणत तागेल्या संगितांतल्या उणाकपणाची फकाणां मारताले.

त्या उपरांत जाय ते दीस मेरेन सगळे जाण ताका सदांच "रामू, तुगेलें संगीत आनी केन्ना आयकुवपाक मेळटलें?" म्हूण विचारताले. "म्हाका वाजोवचें दिसतलें तेन्ना!"तो जाप दितालो. तांकांय मेळटा तेन्ना वाजोवपा इतलें तें सोपें न्हय म्हूण खबर आशिल्लें. ते खोलयेंत सगळे जर कोणाक आदर दिताले तर ते रामाक एकट्याकच.

तांगेल्या सगळयांल्या आदरान तागेल्या कामाचो प्रस्न सुट्टा तर? ताणें येवन दोन म्हयने

सोंपले. हाडिल्ले पैशेय अर्द सरले. अशेच दीस गेल्यार कठीण आशिल्लें. 'तूं संगीत कित्याक शिकयना?' शंकरान ताका विचारलें. रामान हांसत 'तुमने मुजकोचें युग हें, थंय म्हजें संगीत कोणाक जाय! गवय गातात तशें शिकोवया म्हळयार तें म्हाका कळना'' ताणें जाप दिली.

○

29

तीन म्हयने सोंपत आयले. रामालो खिसो रिकमो जावपाक आनी चड दीसनाका आशिल्ले. अशेच दीस सोंपून काम मेळना जाल्यार, आपणाचेर कामधंदो नासतना अन्नाक म्हारग जावन कंगाल जावपाची पाळी येतली अशें ताका दिसलें. एक दीस ह्याच विचारांत शारांत भोंवपाक गेलो. चमकून बेजार येवन चौपाटी समुद्रा वेळेर येवन बसलो. थंयची रेंव मद्रासांतले रेंवे भशेन नाशिल्ली. मुखाल्ले दर्या उदाक घाण घेवन येत आशिल्ल्यान आपणालो निजाचो हांसो वगडावन बशिल्ले. शाराकडेन येवपी त्या समुद्राक गाज नाशिल्लो. मस्तेपणय नाशिल्लें. पावसा उदकाचे जोरगतीन खदोळ जाल्ल्या तळ्याभशेन आशिल्लो थंयचो समुद्र. पूण थंय वेळेर बशिल्ले लोक मात उलोवपाच्या भरांत उत्साहान आनी उमेदीन नाचताले. येवपी, वचपी, खावपी, धेंकर दिवपी अशे मुंबयंतले सगळे तरेचे लोक थंय जमताले. इतले लोक आसतनाय कोणालीय वळख नाशिल्ले भशेन थंय बसपाक जातालें. समुद्राचीं तांक नाशिल्ली पाळां पळयत राम तसोच त्या लोकांमदी बशिल्लो. काम करनासतना आपणें ह्या शारांत दीस काडप साध्य ना. संगीत शिकोवन जालें तरी थोडो पयसो मेळोवचो तो विचार करतालो. ताणें आवयक कागद बरयनासतना म्हयन्या परस चड दीस जाल्ले. तिका कितें म्हूण बरयतलों? कसली आशा तिका दाखयतलों? तागेल्या फ्रेंड्स रुमांतले इश्ट वर्स, दोन वर्सां परस चड मुंबयंतच लोंबकळटाले. "आयिल्ल्या एक दोन म्हयन्यांत काम मेळटा? आमगेली अवस्था पळय! कांय ना म्हळयार एक वर्स तरी तुवें हांगा रावचें नाका?" असो ताका उपदेश करताले. काम नासतना, ऑफिसांच्या दारांत भीक मागत भोंवपाक इतलो दीर्घ काळ लागत अशें ताका दिसूंक नाशिल्लें. आतां तें प्रत्यक्ष अणभवन जाल्लें. आतां बोटीर बसून नीट गांवचो रस्तो कित्याक धरचो न्हय? वचपाक तरी आतां पयसो आसा. मुखार तोय ना जाल्यार...! म्हळ्ळो एक विचार आयलो.

खूब वेळ विचार करून, घरा वचपाक लागलो. वाटेर खंयची तरी जायरात ताणें पळयली. मुखाल्ल्या सप्तकांत मुंबयंत एक चित्र प्रदर्शन आसा अशें ताजेर आशिल्लें. मैसूरांत पळयिल्लें दसरा चित्र प्रदर्शन ताका आवडिल्लें. तें प्रदर्शन पळयले उपरांतच आपणें गांवा गेल्यार जालें अशें ताणें थारायलें. तें सप्तक यो मेरेन तो सहनशीलतायेचो आगर जाल्लो. "केन्ना येतलो एप्रील म्हयन्यांतलो पयलो दीस! चित्र प्रदर्शन उक्ते जावपाचो दीस!" म्हणत आशिल्लो. दीस येनासतना रावता? त्या दिसा राम चित्र प्रदर्शनाक आयलो. 'टाउन हॉलां'त सगळे तरेचीं चित्रां हाडून प्रदर्शनाक दवरिल्लीं. त्या दिसा दनपारां बारा वरांचेर प्रदर्शनाक आयिल्लो राम सांजे मेरेन थंयच आशिल्लो. आपणाकडेन तितल्या पुरतेच पयशे आसात हें जाणा आसूनय तीन दीस मेरेन तेंच चुकनासतना येवन पळयतालो. आपणें ल्हानपणातलें चित्रां काडपाचें पिशें कित्याक सोडलें, अशें ताका मनांत दिसत आशिल्लें. परती ती कला शिकपाचो विचार ताणें प्रदर्शनांतल्यान येतना घट्ट केलो. "हांवें खंयचे तरी कला विद्यालयांत शिकपाक वचचें? एक दोन वर्स ताजो अभ्यास करप." अशेंय ताका

दिसलें. पूण ताका कसलीच सोय नाशिल्ली. ताज्यांत तितली सहनशक्तय नाशिल्ली.

तीन दीस मेरेन हें पिशें घेवन तो माटुंगांतल्या सगळया व्हडांल्या घरांत वचून येवपाक लागलो. शारांत काम सोदून पुरो जाल्लें. दर एका गिरेस्तालें अशें दिसपी घरांत वचून दारार मारतालो. तें उगडल्यार 'संगीत शिकोवपी जाय?'' म्हणटालो. हेंच ताजें काम जाल्लें. हाजे भशेन असलें काम पयलीं कोणें केल्लें काय ना कोण जाणा, पूण एक सप्तक भर ताणें केल्लो हो यत्न फुकट गेलो ना. 'मुखाल्ल्या आयतारा सकाळींच येयात. तुमगेलें गावप आनी वाजोवप आयकून सांगतां'' अशें एक घरांत सांगलें. ताणें आपणाल्या इश्टा कडसून एका दिसा खातीर एक व्हायोलीन हाडून घेतलें.

तो आयतार आयलो. वेळार पावपाक जाय देखून तानेकय घेनासतना यो म्हळ्ळया त्या गिरेस्तागेर तो पावलो. हाज्या नशिबान तांणीय तानेक घेतिल्लें नाशिल्लें! हाकाय तांणी आपणा वांगडा चाक बसयलें. तानेक घेवन जालें. आतां संगीत शिक्षकाली योग्यताय पळोवपाची उरिल्ली. तो गेल्लो धारवाडच्या उडुपी रायागेर. उडुपी राय थंय इन्शुरन्स कंपनीत व्हड काम मेळोवन सुखांत आशिल्ले. तांकां घर भरून भुरगीं आशिल्लीं. पगारय बरो आशिल्लो. आपणाल्या दोग धाकल्या भुरग्यांक संगीत शिकोवपाची तांकां इत्सा आशिल्ली. पूण कसले तरेचें संगीत म्हळ्ळें मात तांकां समजनाशिल्लें. घरचीं भुरगीं सगळीं "तुमने मुजको'' म्हणत गुंयगुंय करतालीं तें पळोवन संगिताची आवड आसल्यार शिकनात तीं म्हूण तांकां दिशिल्लें. रामान व्हायोलीन घेवन तांचे मुखार खंयचें तरी एक पोरणें पद वाजयलें. सुब्रायान नागवेणीक शिकयिल्लें पद तें. तें जाले उपरांत एक-दोन नवीन पदां वाजयलीं. घरकाराक समाधान जालें. तांगेल्या शांतु आनी सीतेक हो गुरू जायत असो दिसलो. रामान तांकां सप्तकांत स पाठ शिकोवप आनी म्हयन्याक तूर्त बारा रुपय पगार म्हूण थारायलें. 'जायत' म्हणत तो थंयच्यान भायर सरून एका मैलार आशिल्ल्या दुसऱ्या घरांत आयलो. घरा मुखार मोटारकार आशिल्ली. घर बऱ्या व्हड मनशालें अशें दिसतालें. त्या घरांत सकयले माळयेरच रावबहादूर शिवानंद रायालें घर आशिल्लें. थंयच वचून राम उबो राविल्लो. शिपायान येवन हाजें नांव विचारून भितर सांगलें. उपरांत 'वेटींग रुमांत' ताका बसपाक सांगलें. 'हांगा जमल्यार भरपूर पयशे मेळटले' अशें ताका दिसलें. शिवानंदराय आपणाल्या चवदा वर्सां पिरायेचे चलये वांगडा दिवाणखान्यांत येवन बसले. रामान व्हायोलीन काडलें. तितल्यांत ते चलयेन "बाप्पा, तें आमगेलें व्हायोलीन, रातीं शंकररायान व्हेल्लें'' म्हळें. रामाक लज दिसली, व्हायोलीन नाशिल्लो व्हायोलीनकार म्हूण घेवचें पडलें म्हूण. तागेलें व्हायोलीन गांवांत आशिल्लें. ताणें तें धरनासतना युगां जाल्लीं.

शिवानंदरायान शंकररावाल्या मित्रा कडेन उलोवन "वाजयात'' म्हळें. रामाक रागांची बरी वळख आशिल्ली. ताणें आत्मविस्वासान वाजयलें. सकाळच्या वेळार मन तृप्त जाल्लें आशिल्लें. थंयचें सोबीत वातावरण पळोवन तागेले हात समाधानान भोंवले. उपरांत शिवानंद रायान "तुमगेली अपेक्षा कितली? हें इंग्लीश शिकता. ताका शाळेंतूय करचें पडटा. जाय तितलें संगीत शिकलां. चार नवे राग शिकयात. आतां शिकयिल्लेच नाकात. सप्तकांत फकत दोन पाठ घेतल्यार पुरो'' म्हळें. राम हांसलो. "फाटीं शिकयतल्याक धा रुपया प्रमाणे दिताले. पूण ते नेमान येनात म्हूण तांकां नाका म्हळें'' तांणी सांगलें. राम "जायत'' म्हूण भायर सरलो.

त्या दिसा साकून तो संगीत शिकोवपाक घरां सोदीत भोंवपाक लागलो. तेन्ना ताका आपणें व्हायोलीन घेवपाची गरज दिसली. हातांत आशिल्ले पयशे ताजे खातीर खर्च करून चार दीस अडचण जाली तरी आपणाल्या कामाक लागलो. पूण कितें? तागेलें मन चित्रकलेकडेन चड धांवपाक लागलें. काम मेळोवचे परस चार आठ म्हयने चित्रकलेचो अभ्यास करचो, उपरांत डिसेंबर मेरेन समाधान जावपा सारकें काम मेळना जाल्यार नीट घरा वचपाचें अशें थारावन तशें आवयक ताणें कागद बरयलें. आवयली जाप कितें येतली हाजी ताका कल्पना नाशिल्ली. तिणें "तुवें चित्रकला शिकची न्हय अशें म्हणना. तुगेलें तें ल्हानपणांतलें पिशें इतलीं वर्सां मेरेन तशेंच उरलें हेंच अजापाचें! पूण ताणें जावं, संगितान तुका जेवण मेळचें ना. बेगीन मुंबयचो राबितो सोडून घरा यो, पुता. हांवें तुगेली वाट कितले दीस पळोवप! हांगचीं दुःखां आमी दोगांय वांगडाच भोगया. ओगीच मुंबयचें सपन आमचे सारक्यांक कित्याक उपकारता!" म्हूण बरयिल्लें.

राम चित्रकला शिकपाक उत्सूक जाल्लो. कोणा कडेन शिकप म्हळो विचार ताका सतायतालो. चित्र प्रदर्शना वेळार आपणें पळयिल्ल्या एका चित्रा कडेन तागेलें मन ओडटालें. तें चित्र काडपी 'मॅडम नोवा' हिजे कडेन शिकल्यार जातालें अशें ताका दिसलें. शंकररायाकडेन ते विशीं उलयलो. शंकर हो मुंबयच्या रस्त्यांचो डिरेक्टरी आशिल्लो. "तिगेलो स्टुडियो पळयिल्ल्याची याद जाता. हॉर्नबी रोडाचे आड वाटेर खंय तरी आसा. ती यहुदी अशें दिसता. तसलेक फी दिवन तुका शिकपाक जायत?" ताणें विचारलें.

रामाक निराशा जाली ना. दोन दीस मेरेन हॉर्नबी रोड आनी ताजे आड रस्ते भोंवन वयर मान करत बोर्ड वाचत वाचत 'नोवा स्टुडियो' सोदून काडलो. तिणें रावपाचे माळेवेल्या घराच्या दारार ताणें ल्हवूच मारलें. 'यस्'जाप आयली. धा मिनटांनी एके मध्यम पिरायेचे बायलेन येवन कवड काडलें. "कित्याक आयल्यात?" तिणें विचारलें. उपरांत रामान आपणाली इत्सा सगळी तिका सांगली. "हांव टाउन हॉलांत तुमगेलें 'दारिद्र्य गान' चित्र पळोवन पिसो जाल्लों" म्हळें.

"हांव शिकयना. शिकयल्यार म्हजी फी चड. मुंबय सर्त करतल्यांचें शार. तुमकां कोणूय सवाय फींत शिकोवपी मेळत" तिणें म्हळें.

राम उलयलो ना.

"वचपाक हरकत ना."

"म्हजें एक उतर आयकश्यात?"

"कितें?" ती हांसली.

रामान सामकेंच निराशेन "हांवय एक कलाप्रिय. व्हायोलीन वाजोवपाक कळटा. म्हजे सेवेन तृप्त जावश्यात जाल्यार..." म्हूण म्हळें.

"हिंदी संगीत?"

"हय."

"खंयची पद्धत? म्हाकाय तुमगेल्या देशांतल्या गायनाविशीं खूब आवड आसा. आयकुवया जाल्यार."

"आनेक दीस येवन वाजयतां. तुमकां जाय जाल्यार येतां. चित्रकला शिकोवपी शाळेंतलीं चित्रां म्हाका आवडलीं नात. तुमगेलें तें एक चित्र मनांत गेलें देखून हांगा

आयलों.''

ती उलयली ना. तशीच भितर गेली. आपणालेंच व्हायोलीन हाडलें ''हांवय एक अभ्यासक. आतां जाता जाल्यार वाजयल्यार जाता'' तिणें म्हळें.

रामान व्हायोलीन धरलें. तिगेलें तोंड पळोवनच तागेले हात थरथरले. मनय हाल्लें. मान सकल घालून ताणें तें वाजयलें. आपणालो मनावेलो लगाम ताणें मेकळो सोडलो. धा मिनिटां मेरेन चित्र शाळेंतले कोनशा कोनशांत तागेले रागालाप नाचले. तागेलें तोंड आनी हात नोवा अजापान पळयताली. राम निमाणेचें पद वाजोवन थंयसून वचपाक भायर सरलो. ''हांव आतां वचूं?'' ताणें तिका विचारलें.

''तुमी व्हड कलाकार'' नोवान नमळायेन म्हळें. ''तुमकां येवचें दिसता तेन्ना हांगा येयात. कितें जाय तें विचारून शिकात. म्हाका कळटा तें हांव शिकयतां. तुमगेलें गायन आयकुवपाक म्हाका मेळळयार पुरो.''

त्या दिसासाकून राम नोवालो भक्त जालो. नोवा रामाली आवय जाली. रामा कडसून खंयचेंय पद ती शिकली ना. पूण ताणें वाजयिल्ल्या वेळार लक्ष दिवन आयकताली. तो गेल्या उपरांत आपूण जावन तें वाजयताली. पूण आपणाल्या अस्तमतेच्या हाताक, उदेंतेंतली नाद लहरी कशी जमत म्हळळी दुकदूक आशिल्ली. आपणाक कसलोय दुबाव आयल्यार ती रामाक विचारताली. ताजेर भासाभास करताली.

रामालें चित्रकलेचें शिक्षण शिकप मात खूब विचित्र प्रकारचें आशिल्लें. तो नोवान पोशिल्ल्या माजरा भशेन सवकास पावलान स्टुडियोंत येतालो. तिणें येवकार दी मेरेन एका कोनशांत रावतालो. नोवाक स्टुडियो आनी घर एकच. आनेकटो थंय आशिल्लो म्हळयार तिगेलो बापूय. हिटलराल्या वर्णद्वेशाक बळी पडून मुंबय शारांत सोयरे जावन तांकां येवचें पडिल्लें. चित्र काडटना राम तिका पळयत रावतालो. तिगेलीं चित्रां, रेखा चित्रां, चित्र काडपाचीं साधनां पळयत आसतालो. पुस्तकांय चाळटालो. ''तुमकां दिसता तशें काड'' म्हळयार तो तशेंच चित्र काडटालो. हांगा थंय ''अशें न्हय, अशें... हो रंग नाका, हो...'' अशें ती सांगताली. चित्रां काडपाक जाय आसता ती अंतःस्फूर्ती रामांत आसा हें नोवाक खबर आशिल्लें.

एक दीस तांचें उलोवणें चलिल्लें. तिणें रामाल्या घरचे विशीं विचारलें. रामाक यहुदी लोकांलो काकुळतेन भरिल्लो जिणे संग्राम कळून वायट दिशिल्लें. तांणी भोगिल्ल्या त्रासां मुखार आपणें भोगिल्लो त्रास कांयच न्हय अशें ताका दिसलें. तरी नोवान विचारलें म्हळे नंतर ताणें आपणाले आवयलीं वर्णना करून ती एक वीरमाता अशे तरेचो समज तिका करून दिल्लो. वेल्यान आपणालें व्हडपण दाखोवपाक ''आमगेलें घर आसचें समुद्रा वेळेर. एक वाटेन समुद्र, दुसरे वाटेन न्हंय'' अशे तरेन वर्णनं करून सांगिल्लें. समुद्राविशीं सांगतना ''मुंबयचो घाणयारो समुद्र पळोवन म्हाका वायट दिसता'' म्हणटालो. तशें उलयतनाच मुखार आशिल्लें व्हायोलीन ताणें उखलून घेतलें. एक दीस आवय वांगडा घराकडच्या आवाऱ्यार बसून आपणें रातभर व्हायोलीन वाजयिल्ली ताका याद जाली. ते यादीन आतांय तें वाजोवपाक लागलो. तशें कितलो वेळ वाजयलें तो नकळ. भायर गेल्लो नोवालो बापूय बी ताजे सामखार येवन बशिल्लो. तांकां बशिल्ले पळोवन राम भानार आयलो. ताणें वाजोवप थांबयलें. तेन्ना नोवान ''तुमगेलो गांवचो दर्या इतलो सोबीत आसा!'' म्हूण

उद्गार काडले. त्या दिसा नोवा सुखा सर्गार पाविल्ली. "एक पटी म्हगेल्या इश्टांक तुमगेलें वाजोवप आयकुपाक आपोवं? नाका म्हणूं नाकात" तिणें रामाक म्हळें. "कळटल्यां मुखार वाजोवपा इतलें म्हाका खंय कळटा? हांव खंयचेय शाळेंत वचून शिकिल्लो न्हय. खंयच्याय वादन घराण्यांतलोय न्हय. म्हज्या चित्रा इतलेंच म्हजें संगीत 'किंडरगार्डनांतच प्रदर्शन करसारकें" म्हळें. ती हांसली.

मुखाल्ल्या आयताराच, आपणाभशेन परदेशी जावन आयिल्ल्या मुंबयंतल्या कांय येवरोपी इश्टांक नोवान घरा आपयले. तांचे कडेन रामाची वळख करून दिली. तांकांय रामाली वळख जाली. तांचे मुखार रामाक व्हायोलीन वाजोवपाक बसचें पडलें. त्या दिसा थंय एकठांय जाल्ल्या यहुदींक पळोवन तागेलें मन वेगळेच तंद्रेंत व्हांवपाक लागलें. तांगेलीं दुकांच दर्या जावन, तागेल्या मनाक हालोवपाक लागलीं. तेच प्रेरणेन एक राग वाजोवपाक लागलो. देश-परदेशांत त्रास भोगून आयिल्ल्या त्या आयकुप्यांक तागेलें वाजप खूब आवडलें. आपणाले जीण सगळी त्या गानांत पडबिम्बीत जाल्ली तांकां दिसली आसत. तांणी "अद्भूत जालें!" म्हळें. आपणाल्या नव्या शोधाक लागून नोवा त्या दिसा खुशालभरीत जाल्ली.

म्हयने आपशींच सोंपत गेले. रामालें उत्पन्न मातय वाडलें ना. पयलीं मेळिल्ल्या दोन घरां शिवाय संगीत शिकोवपाक आनी घर मेळलें ना. एक दोन पटी यत्न करून पळयले. आतां आशिल्लीं घरांय ताका अडचणेचीं दिसलीं. कारण उडुपीराय जावं, शिवानंदराय आपणाल्या चोरडांक अमकोच पाठ दिवपाक जाय म्हूण सांगपी आशिल्ले.

उडुपीराय हे वैष्णव भक्त. "चोरडांक चार देवानाम बरीं करून शिकयात" म्हणपी आशिल्ले. आपणाली आवय गायन शिकता आसतना राम कान दिवन बसतालो म्हूण सुब्रायाल्या तोंडांतल्यान ताणें आयकून शिकिल्लें देवानाम पुण्यायेन आतां उपकाराक पडले. तरी सप्तकांत एक देवानाम ताका शिकोवचें पडटालें. अशे तरेन आपणाल्या पदां संग्रहांतलीं देवानामां सोंपपाक चड दीस लागचे नात हें राम जाणा आशिल्लो.

शिवानंदराय सप्तकांतल्या दोन पाठां वेळार आपणाले चलयेक अमको अमको राग शिकय म्हूण सांगपी आशिल्ले. ते संगीत तज्ञ काय न्हय हें कळनाशिल्लें. पूण तांकां रागाचीं नांवां खबर आशिल्लीं. तांतले केन्ना तरी चुकून वाजोवपाचे रागच ते शिकोवपाक सांगताले. रामाक तो राग येतालो वो येना आसतालोय. 'फकत राग आनी पदां म्हळयार संगीत' म्हळळें तागेल्या मनाक पटनाशिल्लें. तागेले संगितांतले रागालाप सगळे सैमाचेर आधारिल्ले आसताले. काल वाजयिल्ले भशेन आज वाजय म्हळयार ताका जमना. अशा वेळार अमकेंच शिकय म्हळयार कशें जमत? आपणाले शिश्येक स्वर लावन दिवन रागाची वो चालीची बुनयाद ताणें घालून दिवपाक जाय. घरा बसून, स्वर जुळोवन, रागाची मांडणी आपणें घालून घेवन उपरांत ते शिश्येक शिकोवचें पडटालें. अशें करप ताका पटनाशिल्लें. पूण म्हयन्याक येवपी बावीस रुपय सोडपाचें तरी साध्य आसा?

तो तांतले आवयक पांच-पांच रुपया धाडटालो. उरिल्ल्यांत जेवण-खाण, आंगाचे, चित्रां काडपाक जाय ते कागद, पिशोल, बी घेवपाक खर्च करपाक जाय आशिल्ले. आतां तो फ्रेंड्स रुमाचो पूर्ण मेंबर जाल्लो. मारुतीगेर तांचे बिराड आयलां. तागेली बायल आयल्या. आनेकट्याक बसपाक जाय तितलोय जागो आतां थंय ना हें रामाक कळिल्लें. अशें

जाल्ल्यान तो चड वेळ इश्टां वांगडाच उरतालो. तो फ्रेंड्स रुमांत आसतना गंगाधराल्या गळ्याक कुलूप लायिल्ले भशेन जातालें. तो बाबडो तोंड बंद करून असो कितलो वेळ रावत?

गंगाधर एक दोन म्हयने खंयच्या तरी स्नोची एजन्सी घेवन मुंबय राज्यांत सगळो भोंवन आयलो. म्हयन्याक पन्नास रुपय ''ार घेवन मजेंत उरलो. पूण जाय तितलें गिरायक आनी तांगेले पत्ते ताजे कडसून मेळ्ळे तशें स्नोकंपनीन ताका कामावेल्यान काडिल्लो. उपरांत टॉयलेट कंपन्यो सगळ्यो 'बोर्जुवा कंपन्यो' अशें तागेलें मत जावन समतावादांत तांकां स्थान ना अशेंय ताका दिसलें.

दीस वतां वतां मुंबयची जमीन तापून पावसाळ्यांक आपोवणें पावलें. तो वेळ मेरेन रामाक छात्याची गरज दिसली नाशिल्ली. जून म्हयनो आयलो तसो दळभद्र्या पावसाळ्याक लागून, तागेल्या पयशांतलो थोडो भाग ताणें पावसाक काणीक म्हूण दिवचो पडलो. तितलो तागेल्या पोटाक मार! एक म्हयनोभर ताणें भायर चा पिवचो सोडून एक सत्री घेतली. अशे तरेन तागेली एकेक गरज ताजे कडसून एकेक त्यागाची अपेक्षा करताली. पूण त्या इश्टां कडेन पावलो तसो तांचे भशेन खोशेन उलयतां उलयतां हेर सगळें तो विसरतालो. हालीं तांगेल्या 'व्हर्जिनिया'' तंबाकूच्या वासान ताची पयलीं भशेन तकली दुखनाशिल्ली. ताजी संवय जाल्ली. आदीं ताका ताजो त्रास बळयां सोंसचो पडटालो.

गंगाधर ताका पळोवन ''रामू, सिगार ओडनाशिल्लो आर्टीस्ट कसलो तूं?'' म्हूण तागेली मस्करी करतालो. रामाकय सिगार ओडनशें दिसतालें काय कोण जाणा, पूण ताजे खातीर खिश्याचें कशें जुळोवप? तागेल्यो सगळ्यो आवड्यो हे भिरांतेक लागून पैसच उरताल्यो. पावस पडत आशिल्लो तशी संवसारांत मनशाली वाड जायत वताली. उडुपी रायाली चली व्हड जाली म्हूण रायांनीं सांगलें. जाय तसो घोव मेळिल्ल्यान तिगेलें लग्नय करून दिलें. संगिता मास्तराक लग्नाचें आपोवणें आयलें. लग्ना दिसा तांगेर जाल्ले खाजकेंच थंय घेतिल्लें ताजें निमाणें खाण आशिल्लें. त्या दिसा बाविल्लें तोंड घेवन आयिल्ल्या रामाक पळोवन शंकरान ''आज स्टुडियोंत गेलो ना?'' म्हळें. ''लग्न हें संगिताचे मरण'' म्हूण ताणें जाप दिली. मुखाल्ली खबर ताणें सांगपाची गरज नाशिल्ली. ताणें ''आनी खंय तरी काम पळोवपाक जाय न्हय?'' म्हळें.

''पळयना जाल्यार रथ चलचो ना. कशेंय आसलें तरी हो पावसाळो सोंप मेरेन वो वर्सा अखेर मेरेन हांगा रावतां. मुखार म्हाका मुंबय नाका.''

''कितें, इतल्यांतच तुका बेजार आयलो? चित्रां काडपाचें शिक्षण सोडटा? हें 'बोर्जुवा' शार. चित्रकला कळटल्यांक हांगा जगपाक तसो त्रास जायना. खंयच्याय गिरणी मालकालें चित्र काडल्यार पांयशीं रुपय येतात! आमचे भशेन पांच धा मेजचे लागना.''

''ते आशेन हांव शिकना. हांव संगीतय ताजे खातीर शिकलों ना. चित्रकलेन ह्या शारांत जेवण सुटना. आमगेल्या स्टुडियोची मालकीण तितले पुरतेंच मेळयता. तशें पळयल्यार तिगेली योग्यताय म्हान आसा. ह्या शारांतल्यांक सवाय आर्ट जाय. फोटोक रंग सारोवन सात-आठ रुपयाक दिवपी आसल्यार पुरो. आर्ट बिर्टाचो विचारच ना. खंयच्याय एका प्रदर्शनांत एका म्हाराजान येवन पांयशीं रुपयाक एक चित्र घेतल्यार जालें? उरिल्ल्यांचें कशें चलप?''

गंगाधर इल्लो रसीक मनीस. "राजाक घेवपाक नागडीं चित्रांच जाय. तशें आसत तर ते कलाप्रिय जातात" ताणें म्हळें.

"हय, तें मात खरें... कशेंय जावं, म्हाका मात मुंबय पुरो जाली. हांगा उपास काडचे परस घरांत काडपाक जाता न्हय? बूट, पँट घालून उपास काडल्यार चड मान आसता?"

"रामू, तुका खबर ना. आमी वीस वर्सां उसरां जल्माक आयले. फाटले पिळगेंतले हांगा मॅट्रीक जावन आयिल्ले आज सयशीं, आठशीं, हजार मेरेन मेळयतात. आतांच्यांची अवस्थाच वेगळी."

"आतां सिनेमा आर्टाक मात मोल उरलां. पूण आनेक पांच स वर्सांत हांगाय 'बोलशेविजम' येता... हे डायरेक्टर, स्टार सगळे मातये भरवण जातात... शंकर म्हाका 'जर्नेलिजम्' घेवपाक जाय अशें दिसता. एक सिनेमा जर्नल काडून ह्या मुंबयच्या नटयांचो बुको करून उडोवपाक जाय अशेंय दिसता."

"ताजे खातीर तुवेंच नेमाळें काडपाक जाय म्हूण आसा? मुंबयंत कितलीं नेमाळीं आसात. बरें बरोवन विचारपूर्वक विमर्शा केल्ली आसल्यार तुजें बरप तेच उजवाडायतले."

"आरे रामा.. तूं अजून ल्हान आसा. म्हजें सर्विस कितलें जालां तें तूं जाणा? सगळया नेमाळयांक बरोवन धाडलें. पूण तें पावलें कोयरा बुटेंत! तांणी तशीं टीका छापली जाल्यार तांकां सिनेमा थेटराची जायरात मेळटली?"

रामाक तसो शारांतलो अणभव जाय तो आयलो. ताकाय हांसो येतालो. तरी पूण सोशालिजमाचें भांगरा यूग आपूण मर मेरेन येत अशें आतां ताका दिसनाशिल्लें. तागेलें सोशालिजम हंगारकट्टेंत काँग्रेस क्लबांत जितें आशिल्लें. आतां फ्रेंड्स रुमांत आसा. पूण थंयचे वारे भायर व्हांवत म्हूण मात ताका दिसना.

पावसाळयांत रामाक वयलेवयर नागवेणीलीं कागदां येत आसतालीं. "पुता, गांवांत यो. गांवा भोंवतणे खंयचे तरी शाळेंत मास्तरकी मेळळे बगर रावत? बी. ए. शिकिल्ल्याक पंदराय रुपय मेळचे नात? हांगाच सुखान रावया. थंय परगांवांत गिरेस्ता म्हऱ्यांत उपास काडचे चड कश्टाचें जाता. शिवाय समाधान म्हळळें मेळटा? हांगा आमगेलें गरीबपण दुसऱ्याक कळचें न्हय अशे तरेन तरी भोगपाक जाता न्हय...?" तिणें बरयिल्लें.

रामालें ट्युशानाचें एक घर ना जाल्लें. त्या जाग्यार दुसरें मेळप सामकेंच कठीण आशिल्लें. बरें, शिवानंद रायाल्याय चलयेक लग्न जायनासतना रावत म्हूण आसा? अशे तरेचे विचार रामाक येत आसताले. क्रिसमस् रजेंत आपणाले मुंबयचे जिणेक पूर्णविराम दिवपाचो; तो वेळ मेरेन कितलें शिकपाक जाता तितलें चित्रकलेचें शिक्षण घेवपाचे म्हूण ताणें विचार केलो. तो वेळ मेरेन गांवांत वचपाक पयसो मेळोवपाक जाय आशिल्लो. जमता जाल्यार चड पयशे मेळोवन चार दीस आवय वांगडा कसलीच चिंता नासतना रावपाक वाट करून दवरपाक जाय अशेंय ताका दिसलें. पूण ही निमाणी येवजण फकत सपनांतली म्हूण तो जाणा आशिल्लो.

असो तो त्रासांत दीस काडटा आसतनाच तागेले आवयचें एक कागद ताका आयलें. तें वाचून ताका खोस जाली. तशें आवयन पयली एक व्हड कागद बरयिल्लें. पावसाक लागून जाल्ले लुकसानी विशींच तें आशिल्लें. ताका लागून घरांतले देवाकुडीचो कट्टो पडलो. जाणटेल्यान गोट्याक आनी देवा कुडीक नळे घाल्यार जाताले म्हूण विचार करीत

आसतनाच पावसान पांखें एक सारकें गळत राविल्ल्यान वंणट्यो भिजून पडल्यो म्हूण तिणें बरयिल्लें. ताज्या दुसऱ्याच दिसा सकाळीं हें दुसरे पत्र पावलें. पंदरा दिसांनी एक पटी कागद बरोवपी आवयन फकत तीनच दिसांत आनेक कागद बरयिल्लें पळोवन ताका अजाप जालें. पूण हें कागद पयलीं भशेन नाशिल्लें. तातूंत तागेले अपेक्षे भायर बरी खबर आशिल्ली. वंणटीची पडिल्ली माती खोऱ्यान ओडून, कुशीन काडटा आसतना आपणाक वणटींत पुरिल्लो एक ल्हान करंडो मेळ्ळो आनी बच्चीन म्हळ्ळें उतर खरें जालें अशें तिणें बरयिल्लें. त्या करंड्यांत राणयेल्या काळांतलीं तीस पोवनां आशिल्लीं. "हो मांवाल्या कारभारा शिवाय आनी कोणाचोच न्हय" अशें बरोवन "आतां थंय आनी कित्याक त्रास काडटा? गेणीक थोडी जमीन घेवन रोवन, कापणी बी करून हांगाच दीस काडया" म्हूणय तिणें बरयिल्लें.

त्या दिसा राम जितलो सपन साम्राज्यांत घुंवलो तितलो तो केन्नाच घुंवलो नाशिल्लो. देवा व्हयरी मात न्हय, तर रावचे माळयेचें घरय पाडोवन, ताज्यो वणट्यो फोडून, शंभरेक करंडे आनी तपलीं मेळोवन, लक्षाधीश जावन मुंबयच्या मेरीनात मोटारगाडेतच भोंवता अशेंच ताका सपन पडलें. इतल्यांत गाडये सामकार कोणतरी आयलो. तसो तो आडवो येनाशिल्लो जाल्यार तागेलें सपन आनिकूय कितलें भव्य जातालें कोण जाणा! तागेली मोटार गाडी आडायिल्ल्यान थांबली. त्या वेळार उजवाडय जाल्लो.गंगाधर "जादु हा, जादु हा..." म्हळ्ळें पद म्हणत हातुळणावेल्यान उठ्यलो.

रामाक लज दिसली. आपणाक आवयलें आयिल्ले कागद खरें काय तेंय सपन म्हळ्ळो ताका दुबाव मारलो. आपणाल्या खिशांत हात घालून, तें कागद काडून परतून वाचलें, खात्री करून घेतली. तागेलें मन खुशालभरीत जाल्लें. त्या आयतारा फ्रेंड्स रुमांतल्यांक एक चा-पार्टी भेटयतां म्हूणय ताणें सांगलें. ताजे खातीर ताका रीण मात करचें पडलें. तरी आपणाल्या कम्युनिस्ट मित्रांक ताणें खावपाक दिवन भरपूर खोस भोगली.

दुसऱ्या दिसा साकून रामालो एक पांय स्टुडियो कडेन ओडटालो जाल्यार दुसरो पांय कोडीकडेन ओडटालो. तागेले एक दोळे नोवा-आवयक पळोवपाक उत्सूक आसल्यार दुसरे दोळे घरचे आवयक पळोवपाक आंवडेताले. एक दीस ताणें जिवार येवन नोवाक "आनेक म्हयनो मेरेन मात हांव हांगा उरतलों. मुखाल्ल्या म्हयन्यांत म्हगेले आवयकडेन वतां. तिका पळयनासतना खूब दीस जाले...!" म्हळें. "मुंबयंत परत येतलो न्हय? तुका चित्रकलेंत खूब मन आसा. ताज्यान पैसो मेळना, पूण मनाक समाधान मेळटा."

"ताका लागूनच हांव गांवा वतां. म्हजी आवय, म्हजो दर्या, हीं दोनूय म्हाका समाधान दितलीं. तुमी शिकयिल्ली कला आसा. थंय रावन ताजो अभ्यास करतां" रामान म्हळें.

क्रिसमस रजा यो मेरेन कितले फावटीं नोवागेर वचपाक जाता तितले फावटीं तो गेलो. वरां वरां थंय बसून चित्रां काडलीं. तिणें चित्रां काडपाक वेंचून घेवचे विशय, तिणें पिशोल फिरोवपाचो बी तो पळयत आसतालो. वचपाक कांय दीस आसतना "तुमकां दर्याचें पिशें आसा न्हय? पूण तुमी तें काडिल्लेंच दिसना" ताणें नोवाक विचारलें.

"आमी भितरल्या प्रदेशांत रावपी. दोंगर आनी मैदाना वाठारांत आमगेलो जल्म जाल्लो. आतां दर्या लागीं आसा खरो; पूण तेन्ना तो थंय खंय आशिल्लो?"

"हांगाचो दर्या आमगेल्या गांवच्या दर्याभशेन न्हय! म्हाका सानपणांत ताजीच आल्लय

आयकूंक येताली. ताजें गान आमगेल्या घरांतल्यानच आयकतां. हांगचो थंडेल्लो दर्या पळोवन कितें तरी होगडावन बशिल्ल्या दर्या भशेन दिसता. ह्या दर्याक आमगेल्या दर्या भशेन आत्मोच ना सो दिसता.''

''तुजे यादी खातीर म्हूण म्हाका एक समुद्राचें चित्र काडून धाडशी?''

''म्हजी तशीच इत्सा आसा.''

''रामू, तुमगेलो देश कसलो? हांगा गरिबीक लागून सगळयांनी निराशेंत जगपाक जाय!''

''तुमगेल्या देशांत म्हूण कितें जालें? निराश आनी गरीबी वांट्याक वर्णव्देश तुमचे मुखार देंवचारा भशेन रावलो न्हय!''

''खरें. न्हय जाल्यार आमी मुंबय येवपाची गरज खंय आशिल्ली! हांगा रावता खरें, पूण सदांच तें दोंगर, तो गांव हाजेंच सपन पळयता. खंयचोय देश आपणाल्या जल्म गांवा इतलो सोबीत केन्नाच आसना!''

''म्हाकाय तशेंच दिसता.''

* * * *

क्रिसमसच्या लोकांनी भरून ओतपी 'नेत्रावती' बोट प्रिन्सेस डॉका लागीं उबी आशिल्ली. फ्रेंड्स रुमांतले रामाक पावोवपाक आयिल्ले. शंकरान तागेलो हात हातांत घेवन ''जर कामाचे चान्स आसत अशें दिसल्यार तुका कागद बरयतां. निराश जावचें कारण ना'' म्हळें.

गंगाधरान ''रामू, तूं सिनेमा स्टुडियोंत यत्न करी नासतना नोवा स्टुडियोंत गेलो. तुजीच चूक'' म्हळें.

तितल्यांत हांसत रामान दोळयांनी खुणायलें. नोवा थंय आयिल्ली. एक ल्हान चित्राची सुरळी तिणें तागेल्या हातांत दिली. ''हो म्हगेल्या घरा फाटलो दोंगर'' म्हूण सांगून हांसली. स्टीमराचो भोंगो वाजलो. नोवालें तोंड पळयतना रामाल्या दोळयांतल्यान दुकां गळटालीं. नोवा आपणालो देश सोडून धांवन आयिल्ल्यान त्या देशाखातीर तिगेलो जीव कितलो कळवळटा आसतलो काय म्हूण दिसून ताचें हड्डें भरून आयलें.

''तुजें उतर... तुजो दर्या...'' नोवान याद केली.

''जायत.''

○

30

सकाळचो दंव पातळ जावन दर्या वेळेवेल्या दोंगरार पातळिल्लो. संक्रांती कडचें शीं बरें पडिल्लें. दांत कडकडावपी वारो व्हांवतालो. त्या वेळार सुक्रा वांगडा चंद्रय बी उदेल्लो. ऐताळाल्या पोरसांतल्या वंयेचेर आशिल्लीं सवणीं चिलिपिली करत उठलीं. घरात चौकेर पातळ वस्त्र पांगरून न्हिदिल्ली नागवेणी जागी जाली. "रामा, सुक्र उदेलो पुता, तंबाखू रोप्यांक उदक घालचें नाका?" म्हणत ताका उठयलें. राती खूब वेळ मेरेन उलोवन, व्हायोलीन वाजोवन न्हिदिल्ल्या ताका त्या वेळार जाग कशी येत? आवय फाटीं धरून आशिल्ले संवयेप्रमाण उठली. चल्याकय उठयलें. "आं, कितें जालें!" म्हणत रामय उठलो. घरा अस्तमतेक आशिल्ल्या आवाऱ्यार तीं गेलीं. मुखार सगळो दंव भरिल्लो. पयस अस्तमतेक पळयल्यार अर्द दर्याच दिसनाशिल्लो! फकत दर्याचो गाज मात आयकूंक येतालो. दोगांय दोंगुल्लेवेल्यान देंवन तांणी नव्यानच केल्ल्या शेतार आयलीं.

तंबाकू रोप्यांचें वंय घाल्लें पोरसूं आनी थंयच काडिल्ली बांय आशिल्ली. राम आनी नागवेणी बांयत देंवन उदाक भरून एकेक घागर तंबाकू रोप्यांक घालपाक लागली. काम केल्ल्यान आंग कुडकुडावपी शीं ना जालें. बरी ऊब मेळ्ळी. रामान न्हेशिल्लो वालो आज्या भशेन मात्याक गुटलावन घेतलो. उदाक घालून सोंपता म्हणसर सूर्य भोंवतणीं पाताळिल्लीं कुपां कापत वयर सरतालो. तंबाकू पानावेले दंवा-थेंबे सकल टपटपताले. पोरसाचे दुसरे बाजून उदाक घालून आपणालें काम सोंपोवन नागवेणीन "पुता, दोन भाजे देंठे काडूं?" म्हळें.

"आज ताजें तोंडाक!"

"आनी कितें आसा? जाय जाल्यार तन्यो तवंश्या पिपरी आसात. त्यो कोंचून सांसव करपाक जाता."

"तन्नी पिपरी काडपाक कित्याक जाय?"

आवयन भाजे देंठे हुमशिले. "पुता, हांव घरा वतां. तूं...? यो, न्हा आनी जेव..."

"आमा, आज शाळा ना. आयतार न्हय? हांव वेळेर वचून येतां. म्हगेलें चित्र अर्द जालां. तें पूर्ण करचें केन्ना? आनी मुंबय धाडचें केन्ना? गांवा येवन तीन वर्सां सोंपलीं!"

अशें म्हणत राम वेळेर धांवलो. रेंवेंत तो घोड्या भशेन धांवतालो. दर्या वेळेर पावलो तसो धप्प करून तो बसलो. दंव आनी वारें आशिल्ल्यान कुडबकी जावन बसून तो दर्या ल्हारां मेजपाक लागलो. दंव कापून पाळांचो उमो घेवपी सूर्य मदीं मदीं ताजे वेल्या फेणेराक नारंगा भशेन, तशेंच भांगरा भशेन, उपरांत पांचव्या उजवाडा भशेन रंग दिवन हांसयतालो. दर एक हांसो, दर एक रंग रामाल्या मनांत चित्रां कोरायतालो. तागेलीं बोटां एक काडी घेवन जमनीर आडयो मारताली.

वत बरें तापलें. फाटी कणो ताप मेरेन तो तसोच बशिल्लो. त्या वेळार खोरें घेवन

मोगेर चेन्ना ते वाटेवेल्यान आयलो. "कोण, मास्तर! आज इस्कोल ना?" गांवच्या मास्तराक ताणें विचारलें.

"चेन्ना, आज रांपण मात आसा. शाळेक रजा."

"मास्तरांनूं, रांपण वयर लावन म्हयनो जालो. देगेर शेतकांनुस्तें पावनासतनाय म्हयनो जावन गेलो. एकेक वर्सा एकेक तरा पळयात."

"चेन्ना, तुमकां शेतकांच जाय? तें ना जाल्यार डुकरां नुस्तें मेळ्ळयार जायना?"

"डुकरा-नुस्तें खाल्यार आमी मरचें पडटलें. ती सगळी मस्करी आसूं मास्तरांनूं, आमगेलो चेडो कसो शिकपाक? घरांत कांयच बरयना, वाचना. फकत एक दस्कत घालपाक कळ्ळयार पुरो. म्हाका शिक्षण ना जावन केदी पंचायत जाता पळयात."

"तें ना जाल्यारच बरें, चेन्ना. म्हगेल्या बापायक तें येवनच आज्याली इश्टेट उडुपी सावकाराक पावली."

"ती तुमी परत घेवपाचे आसात खंय, न्हय...?"

"ताणीं दिवपाक जाय आनी आमचे कडेन पैशे जमपाक जाय!"

"देव आसा, करतलो. ह्या वर्सा तुमचो तंबाकू भेस बरो जाला. हांवें तुमगेलें पोरसूं पळयिल्लें. कशें आसा पळयात, हांवें हाडून घाल्लें नुस्त्या सारें!"

"चेन्ना, तुवें घाल्लें सारेंच इतलें बरें पीक दिता जाल्यार तुजेंच सारें करून घालें जाल्यार बरें जातलें अशें म्हाका दिसपाक लागलां."

"मास्तरानूं! ह्या मास्तराल्यो मस्कऱ्यो, सदां मस्कऱ्यो! जावं, तुमी घरांत तें वायवोलीन काय कितें वाजयतात न्हय, तें म्हाका शिकल्यार कळत?"

"हय तर. तुजे सारख्याक तें शिकनासतनाय कळटलें. जावं, हांव आनी तूं एक अदलाबदलाचो वेव्हार करया. तुवें म्हाका जाळ घालपाक शिकोवप, हांवें तुका वायोलीन वाजोवपाक शिकोवप."

"ह्या मास्तराक मस्करी करप सांगपाचें नाका. जिबेरच आसता."

अशे तरेन मस्कऱ्यो चलता आसतनाच थंय पांयान लंगडत बच्ची आयली. "बच्ची, तुगेली गाडी हांगा कित्याकं आयली? हांवें हाडून दिल्लें वखद पांयाक लायलें तुवें?"

"रायांनूं आमगेले हे म्हणटात, भितल्ले नंज गेल्या बगर पांय बरो जावपाचो ना म्हूण. तुमी पांयाक भायल्यान लावचें वखद मात हाडलां."

"चेन्ना, ह्या बच्चील्या घोवाकं दुसरें काम दिवचें अशें दिसता. तुका व्हायोलीन वाजोवपाचें दिल्ले भशेन ताका आस्पत्रेंत दोतोरकी करपाक लावप!"

बच्चीलो पांय विळकल्ल्या वेळार आपणें आस्पत्रेंतल्यान वखद हाडल्यार तें लायनासतना ती अशें उलयता म्हूण ताणें हांसत मस्करी केली. "अगे बायले, धनयान इतलें पयस चलत वचून वखद हाडलें ते गप्प पांयाक लावपाक तुका धाड जाल्ली! ह्या मोगेर पोरांक मस्ती चड जावन ह्या वर्सा समुद्रांत शेतकां येनासतना रावलीं."

"चेन्ना, आमगेल्या पोरसांतले देंट्या भाजेकय कीड लागली तें ताकाच लागून आसतलें" रामान म्हळें. चेन्ना हांसलो.

"धनयानूं, तुमगेले आवयन तुमकां येवपाक सांगलां. चोरडांक घेवन मंदर्तीची आत्या आयल्या खंय." बच्चीन सांगले.

"कोण सुब्बी आत्या व्हय?"

"धनयानूं, हांव बोद्दी; पूण सांगतां म्हूण तुमी रागार जावं नाकात. तुमगेल्या आत्यालीं तीनचार भुरगींय आयल्यांत. तशें आत्याले चलयेकडेन लग्न जावचें न्हय अशें शास्त्र कांय ना. तांकांय दुसरे कडेन सोयरीक सोदपाचो त्रास नाका. तुमगेल्या लग्नाचें शास्त्र एक करून उडयल्यार जायना? घरांत म्हातारे आवयक रांदूंक लावन कितले दीस त्रास दिवपाक जाव असो तुमचो विचार आसा?"

"हय बच्ची, तोच विचार करून हांवें सुब्बी आत्याक सांगून धाडिल्लें. रांदपाक आमगेर एक बायल जाय. तिका म्हयन्याक तीन रुपया पगार दिवया म्हूण."

"अशें तर! आतां घरांत आयल्यांत तीं रांदपाक? म्हयन्याक तीन रुपयांक! कितलो सायबा पगार हो!"

"फकत पगार मात हां. तिणें जेवपाक सदां उडुपी मठांत वचपाक जाय म्हूणय सांगलां!"

"ह्या धनयालीं अजून भुरगेपणां वचनात. पिराय मात जाल्या इतलेंच!"

राम उठून घरावटेन धांवतच गेलो. येतना "बच्ची, तुगेली गाडी सवकास येवं दी. हांव वतां" म्हणत घरा पावलो. घरांत सुब्बी आत्या हाजी वाटच पळयत आशिल्ली. भायल्या दाराकडसूनच "ए आत्या!" म्हूण ताणें आपयलें. "रामा, तूं व्होड जालो रे आंता! गांवा येवन तीन वर्सां जालीं तरी आमगेर येवपाक तुका फुरसद मेळ्ळी ना. ह्रांवेंच येवचें पडलें. ह्या चोरडांनी वचया म्हूण हट्टच धरलो म्हूण हांकाय घेवन आयली. सालिग्राम तेरय करया म्हळें."

सुब्बीलीं तिगां भुरगीं आयिल्लीं. व्हडलीं दोगां घरांतच उरलीं. आतां आयिल्लीं म्हळ्यार लग्न जाल्ली पार्वती, जायनाशिल्ली धा वर्सां पिरायेची जानकी आनी तांगेलो धाकलो भाव रामकृष्ण. "मगेली बायल आयली! बच्चीन सांगले तशें, जानकी! म्हाका शाळेंत वतना खिशांत घालून व्हरपाक एक चली, न्हय, बायल जाली" रामान मस्करी करत म्हळें.

"रामा, तुका सगळो खेळ असो दिसता. केन्नाय मस्करी येवजतात! तुगेले आवयन इतले दीस सगळें करून थकिल्ली पुरो ना? बेगीन एक लग्न करून घेवन, तिगेले त्रास तरी उणे कर" सुब्बीन चार उतरां सांगलीं. "हांव आयिल्ली खरी, पूण म्हगेली चली तुका ल्हान..."

"ल्हान जाल्यार कितें? तिणें रांदप केल्यार जालें न्हय? बायल आसची ती ताजे खातीरच न्हय?" "तुगेलीं असलीं पोराटकीं उतरां केन्ना उणे जातलीं कोण जाणा! रामा, शाळेंत वचून भुरग्यांक तूं हेंच शिकयता रे?"

"आनी कितें तर सुब्बी आत्या? कोडींतली सगळीं भुरगीं पोराटकीं जाल्यांत न्हय? सगळयांक ह्या रामालो वारो लागलो आनी अशें जालें."

इतल्यांत आवय आयली. "आमा, सुब्बी आत्याक तानेक दिलें?'

"ना पुता, मुगा दाळ शिजपाक दवरल्या. तीं मंदर्तिचीं..."

"हय, त्या गांवांतल्या लोकांक कॉफी पिल्यार गरम जाता."

"पिश्या, कॉफी बीं तरी घरात हाडून दवरिल्ली आसा तुवें?"

"ताजे खातीर बींच जाय तर! गांधी कॉफी केल्यार जायना?"

शाळा नाशिल्ल्यान वेळेचें भान दवर नासतना राम उलयत बसलो. भितर रांदप तयार जातकच आवयन येवन "कितें? आंता जेवपाचें बी आसा काय ना?" म्हळें. सुब्बीलें न्हाणय जालें नाशिल्लें. रामालेंय न्हावन जालें नाशिल्लें. तिणें येवन गवजी घाले नंतर दोगांय जाणां तळयार वचून न्हावन आयलीं. सगळयांक भाजे रोसाचें जेवण जालें. सोयरे आयल्यात म्हूण कितें जास्त ना, उणें ना. उलोवप मात भरपूर जालें.

दनपारचें जेवण जालें. सवडीन नागवेणी सुब्बीकडेन उलोवपाक बसली. रामान येवन "आत्या, तीन दीस तुवें रावपाक जाय. म्हाका आतां उडुपी वचून येवपाक जाय. मध्यानराती मेरेन पावतलों. चुकल्यार फाल्यां जावचे पयलीं पोरसाक उदाक घालपाक हजर..." म्हूण सांगून गेलो. आवयन "पुता, पडुमुन्नूरच्यांक घेवनच वच. तांचो आनी सावकारांची बरी वळख आसा" म्हळें. राम "जायत" म्हूण रेंवे वेळ माडयत पडुमुन्नूराक आनी थंयसून उडुपीकूय गेलो. तो वतकच नागवेणी आपणाल्या घरांतली बरी वायट गजाल सांगपाक बसली. रामा घरा आयिल्लो, वणत पडून थोडे पैशे मेळिल्ले, तो आयलो तेन्ना साकून स्वता शेत रोयिल्लें, तो कोडींतले एके खासगी शाळेंत धा रुपया पगारार काम करत आशिल्लो, सगळें तिणे सुब्बीक सांगलें. तरी "काम कायम न्हय. ट्रेनिंग जावपाक जाय खंय. तें सगळें करचो विचार रामाक ना. हो मूलगेणी जागो आमकां विकत मेळटा जाल्यार मास्तरकी चलता तितले दीस करची, मागीर सोडपाक जाता म्हणटालो."

"कितले पयशे दिवचे पडत काय तांकां!"

"पडमुन्नूरच्यांनी आमगेले हाल सगळे सांगून घरा भोंवतणचो तितलो जागो पंद्राशींक मेळपासारको करया म्हळां. पूण तितलो पैसोय पुराय ना. ह्या वर्सा तंबाकू खूब बरो जाला. आतांचोच दर उरल्यार ह्या वर्सा कसोय हो वेव्हार पूर्ण करून मानान रावपाक हरकत ना. हांवें मांवालें उतर मोडिल्ल्याक, आतां परतून जागो आमचो जाल्यार, सगळयांक एक खेप प्रायश्चीत जाल्ले भशेन जातलें. आमकां कोणाल्याय उपकारात रावनासतना जगपाक जातलें.

आपणाल्या बापायली जमीन परतून कुटुंबाची जाल्यार देवाक काणीक दितां म्हूण सुब्बीन म्हळें. "वांगडा पुजारीचें भाटय मेळयार बरें जातलें. पूण पैसो नाका? घरची जमीन स्वता रोयल्यार गेण दिवपाचे तांदूळ तरी उरतात न्हय? स्वता रोयल्यार तीस चाळीस मुडी तांदूळ घरांत येवचे नात?"

"ते खंय पावतले? ताजे खातीरच घरा फाटल्या आवाऱ्यार काजु बियो घाल्ल्यो. तीन एकर दोंगरार काजीच आसात. रोपे व्होड जाल्यात. दोन वर्सां भितर फोगां लागतलीं. तशेंच दोन तीन एकऱ्यांत सुरु रोपां घाल्यांत. ताजो कसलो त्रास ना. पूण हें उदाक घालचें काम मात दगदगाचें. तंबाकू रोप्यांक उदाक कितलें लागता तें तूं जाणा? एक दीस उदाक चुकपाक जायना. पूण तातूंत आसा तो लाब दुसऱ्या कसल्यांतच ना."

"तुका तशें उदाक व्हांवोवपाक जाता?"

"व्होड आत्या व्हांवयताली तशें जायना जायत; हें काम जायनासतना कशें आसत? आमचें दोग जाणालें रांदून जाले उपरांत उरिल्ल्या वेळांत घरांत करपाक दुसरें कितें आसा?" नागवेणीन म्हळें.

ते राती सुब्बीन परत आपणाल्या बापायल्या काळांतले दीस कशे आशिल्ले ते सांगपाक

सुरवात केली. आपणाली आवय, पारोती, सरसोती हांणी हे भूंयेर आंग मोडून, हूम गळोवन केल्ल्या कामा विशींय तिणें सांगलें. शिवाय "आमगेले मंदर्तीत म्हूण कितें? दीसभर काम. तितले त्रास घेवन काम केल्ल्याक रीण नासतना कशीं तरी जगतात आमी" सुब्बीन सांगलें.

उलयतां उलयतां बरोच वेळ जालो. उपरांत "नागवेणी, रामाक चोवीस वर्सां पिराय आसतली न्हय? काय चड? अजून ताजें लग्न कित्याक केलें ना? बऱ्या कोणाली चली ताका मेळची ना काय कितें?"

"हांव ही गजाल ताजे मुखार उलयना. विचारल्यार तो कितें सांगतलो तें हांव जाणां- 'आमा, आमी जेवचें जेवण आनीकूय तोंडांत वांटून घालपाचें काय कितें? फाल्यां जावपी भुरग्यांची गत कितें?' म्हणटलो."

"तूं एक ! वारो आसा ते बाजून सूप धरपी. अशें म्हूण ताणें एकसुडोच रावप? तो कितें संन्याशी जावन तप करत बसतलो? गांवांत कोणे गरिबान संसार केलोच ना? गरिबी, गिरेस्तकाय कितें आमगेल्या हातांत आसता? गरिबी आसलीय तरी जावपाचीं तीं तीं कामां ते ते पिरायेर जावचीं नाकात?"

"म्हाका ताजे कडेन सांगपाक तोंड येना. ही बदीक परतून हातांत आयल्यार, ताजे फाटोफाट घरांत सून आयल्यार जाता. कितेंय जालें तरी म्हजे जाल्ले तशे तिजे हाल मात जावनयो. गरिबी आसा खरी. तरी पूण मर्यादेन रावन म्हळी उमेद आसा. रामाकडेन मात हें सांगपाक म्हाका धैर्य जायना."

"हांव रामाक सांगपाकच आयिल्लीं. ताजी तयारी आसल्यार आमगेल्या घराण्यांत एक चली आसा. तिका हाडल्यार जायत अशें दिसता. कसलीच कटकट ना. तांकां आसात फकत दोग चलयो. दोनशीं मुडींचे शेत आसा. व्हडले चलयेचें लग्न जालां. दुसरेक सोळा वर्सां पिराय. ती कित्याक करची न्हय? गांवांतच आशिल्ले शाळेंत तिजें थोडें शिक्षण जालां. तूंय सांग ताका.. आमगेलें त्या घरांतल्या कडेन खूब बरेपण आसा. हांगेले दायजी ते. जातक जुळ्ळयार आनी हाणें जायत म्हळयार जालें. हागेलें जातक हांवें दिलां. तें बरें पडता म्हूण तांणी सांगलां.

"तुवें सांगिल्लें पळयल्यार म्हाकाय करचें दिसता. पूण रामालें मन पळोवचें कठीण काम. हांगा मास्तरकी आसल्यार बरें आसा. म्हयन्याक धा रुपय म्हळयार ह्या गांवांत तशे उणे न्हय. पूण हें काम चड दीस उरचें ना. तांकां ट्रेण्ड जाय. आपणाक शिक्षणच नाका जालां म्हूण म्हणटालो राम" नागवेणीन सांगलें.

ते रातीं दोगीं कितलो वेळ मेरेन उलयत बशिल्ल्यो कोण जाणा. न्हिदिल्ल्यांक सकाळीं रामान येवनच उठयलें. पडुमुन्नूरसाकून रातोरात भायर सरून सुक्र उदेवच्या वेळार घरा पावन ताणें 'आमा!' म्हूण आपयलें. त्या दिसा सकाळीं नाका म्हळें आसतना सुब्बी, तिगेली व्हडली धूव, नागवेणी अशीं सगळीं जाणा तंबाकू पोरसाक उदाक घालपाक आयलीं. काम ताकतिकेन करपाक वचून मातये मडकी एक फोडून उडयली. पडुमुन्नूर आज्याक लागून आपणें गेल्लें काम सगळें कशें मना सारखें जालें तें, उदाक घालचें काम करता आसतना रामान आवयक सांगलें. "पूण तांणी देड हजारा परस एक पयसोय उणो करचो ना म्हळें. जाय जाल्यार जागो चडय दितां म्हळें. साडेतीन मुड्यांचें शेत, घर, आवारो आनी तेवटेन

उपाध्यायाल्या पोरसाक लागून आशिल्ली पांच एकर आवाऱ्याची जमीनय दितां अशेंय सांगलें.''

''जागो भरपूर जालो खरो. पूण पुता, थंय आसा कितें? चार बोड्डु झाडांय नात.''

''आंता कांय नात. पूण पांच एकर काज रोयल्यार पांच वर्सां उपरांत पंचवीस मुडी काजू बियो मेळच्यो नात? ताका कितें चड खर्च आसा? बरी एक वंय घाल्यार जाली. आंता काजुबियांक आसा तो दर तांदळाक आसा?'' ताणें आवयचें समाधान केलें.

उदाक घालचें काम सोंपलें. कमी पडटात ते दोनशीं रुपया खंयसून हाडप म्हळ्ळो विचार रामाक सतायतालो. तंबाकूक बरो दर आयल्यार देडशीं रुपय मेळपाक हरकत नाशिल्ले. पयशे उणे आसात म्हूण सावकारा कडचो हो वेव्हार कितेंय जालें तरी मुखार धुकळचो न्हय. माधवा कडसून उश्णे मागून जाले तरी घरा बदीक राखून दवरचीच म्हूण ताणें थारायलें.

हे फावटीं घरांत आयिल्ले सुब्बी आत्याकडेन राम खूब बरो उलयतालो. पूण ताजे कडेन लग्ना खबर काडपाक मात तिका धैर्य जालें ना. ती गांवा वचपाक भायर सरली. वचच्या वेळार ''रामा, हांव मुखाल्ल्या म्हयन्याक परतून येतां. तेन्ना सगळें कितें उलोवया. ते पयलीं जमनीचो कारभार सगळो सोंपय'' म्हूण सांगून गेली.

हेर गांवच्या लोकांनी आपापणाल्या तंबाकू शेताची कापणी सुरु केल्ली. रामानय आपणाली कापणी करची अशें थारावन तंबाकू जोकपाक म्हूण घरा आंगणांत माटोव घालो. राम तागेली शाळा सुटून आयिल्ल्या वेळार आवय वांगडा काम करतालो. माटोव घालून जाल्ल्या दुसऱ्या दिसाच कापणी आशिल्ली. तंबाकू कापून वजें बांदून तो सुकोवपा खातीर माटवांत बांदलो. आदल्या वर्सा परस ह्या वर्सा पानां बरीं जाल्लीं. आपणें अवंदू सोदून हाडिल्ली तंबाकू बिंयो बऱ्याक पडली अशें ताका दिसलें. मोगेर चेन्नाक हें सांगलें जाल्यार ते आपणाल्या नुस्त्या साऱ्याचें म्हात्म्य म्हणटलो आशिल्लो.

म्हणटा म्हणसर तंबाकू टांगयिल्ले कडेनच गांवचो तंबाकू वेपारी अहम्मद ब्यारी आयलो आनी ''मास्तरांनू, लॉटाचो लॉटच दियात. वजन बिजन कांय नाका, अंदाजान सांगतां. दिवश्यात? सोडत काडिल्ले भशेन. तुमी तयार आसात?'' अशें विचारलें. तेन्ना तंबाकूचो दर बरोच वाडिल्लो. ताका लागून ब्यारी उमेदींत आशिल्लो. रामान मात हांसत म्हळें, ''ब्यारीनू, लॉट दितां. दरय तसोच जाय. ''लॉट' दर... कितें तो सांगात.''

''देडशीं'' म्हूण ब्यारीन म्हळें. माटोव पळोवनच ब्यारी तंबाकूचो दर करपाक जाणा. ताणें तितल्याक मागलो हाजो अर्थ ताका ताजे परस चड दर आसा असो रामान अदमास केलो. ताणें 'अडीचशीं' म्हळें. ब्यारी थंयच्यान तसोच उठून गेलो. देडश्यांक जरी तो तंबाकू गेल्लो तरी लुकसान नाशिल्ली, अशें रामाक दिसलें. आयिल्लें गिरायक सोडचें न्हय आशिल्लें अशेंय ताका दिसलें. सांज वेळार ब्यारीनच 'दोनश्यांक दितात जाल्यार पळयात'' म्हूण कोणा कडेन तरी सांगून धाडलें. रामान 'जायत' म्हळें.

दर दिसान दीस वाडत आशिल्लो. हें जाणा जाल्ल्या ब्यारीन दुसऱ्या दिसाच पयशे दिवन मोकळे केले. सत्तका भितर येवन तंबाकू जोकलो. आपणाक लुकसान जाली ना म्हूण तांकां समाधान जालें. हें पळोवन 'अडीचशीं मेळटाले काय' म्हूण नागवेणीक दिसलें. ''आमा, असो दर वाडलो म्हूणच दोनश्याक पावलो. न्यायान पळयल्यार देडशींच ताजें

मोल. गेल्ले वर्स एकशें वीसच मेळिल्ले न्हय?'' अशें सांगून रामान आवयचें समाधान केलें.

पयशे मेळिल्ल्या सप्तका भितर राम ऐताळाल्या कुटुंबाची थोडी जमीन रामरायाले मालकीची जाली. ही जमीन पुताल्या नांवान रजिस्टर जाल्ल्या दिसा नागवेणीक म्हूण जाल्ली खोस सांगपाची न्हय. वीस वर्सां आदीं तिका उडुपीक म्हूण आपोवन व्हरून ब्रह्मावराक घेवन वचून तिज्या नांवान आशिल्ली जमीन लच्चान आपणाल्या नांवान करून घेतिल्ली. तें जाल्ल्या एका म्हयन्यांतच जमीन तांचो हात सोडून गेल्ली. नारायण आज्यालो आधार नासतालो जाल्यार ती मूलयेणीकय मेळ नाशिल्ली. थंय परत येवन रावपाचीय आशा नाशिल्ली. आतां परतून ते जमनीचे रुणानुबंध जोडले म्हूण तांकां खूब खोस जाल्ली.

राम उमेदींत आसतनाच आपणें तागेल्या लग्नाची खबर काडची अशें आवयक दिसलें. तो प्रस्ताव आज काडचो, फाल्यां काडचो म्हूण ती वाट पळयत आशिल्ली. आतां जमीनय ताब्यांत आयिल्ली. ब्यारीन सांट्याचो वेव्हार केल्ल्यान तांकां कोणा कडेनय रीण घेवचें पडलें ना.

पूण रामाक वेळ खंय आसता? तंबाकूक सकाळफुडें उदाक घालपाचें काम आतां नाशिल्लें. तंबाकू उपरांत थंय दुसरें कितेंच रोवपाचें नाशिल्लें.पूण तागेल्या आवयल्या मनांत शाक-भाजी रोवपाचें आशिल्लें. ''आमा, ह्या वर्सा शाक-भाजी रोवपाची नाका. आंगणांत चार भाजी देंठे घाल्यार जाले'' रामान म्हळें.

''शाकभाजी रोयना जाल्यार जातलें कशें? सदां निखट्या सारान शीत जेवन तुका बेजार येवचो ना?'

''तशें न्हय... आमगेलो नवो आवारो आठ एकऱ्या इतलो आसा. पावस येवचे पयलीं तातूंत दोन मुड्यांचें शेत जावपा सारकी जमीन सारखी करपाचो म्हजो विचार आसा.''

''ते रेंवेंत भात कशें जातलें? काजी घालपाचो आदलो विचार तुजो ना जालो तर!''

''आमा, आसा ते जमनींत भात रोयल्यार पुरो. अवंदू मानाय लावन तरी एक एकर जास्त जमनींत तंबाकू घालचो अशें म्हाका दिसता. भात रोवपाचे दणदण काडचे परस ताजे खातीर त्रास काडल्यार जाता. उरिल्लो सगळो आवारो. थंय सुरी रोपे वो काजू रोपे घाल्यार बरे जातले.

रामान आपणालो तीन म्हयन्याचो पगार सगळो रेंवेंत घालो. रेंवेंशिटो खणून थंय सारखी जमीन करपाच्या कामाक लागलो. जमता तेन्ना आपूणय रेंव व्हांवोवपाक फाटीं उरलो ना. दोन एकरा इतली जमीन पावस पडचे पयलीं सपाट करपाकच जाय म्हूण तो कामाक लागलो. पूण वतांत हें रेंवेंतलें काम जावप कठीण आशिल्लें. पूण पावस पडल्यार रेंवेचें वजन दुपेटीन वाडटा हें जाणा जाल्ल्यान मानाया कडसून काम करून घेवन आपूणय वतान काळो किट्ट जावन बसलो. सांजे, रातीं आनी चान्न्यांतय राम ह्या नव्या शेताकडेनच आसतालो. शेत अर्द जाल्ल्या वेळारच चेन्नाक आपोवन ''चेन्ना, तुगेल्या चेड्याक बरें इंग्लीश शिकयतां,एक शंभर पांटले नुस्त्यासारें हाडून घाल. ह्या वर्सा हांगाय तबाकू घालचो म्हणटां'' म्हळें.

''कितें मास्तरांनूं! तुमी इंग्लीश शिकूनय हांगा रेंवेंत तापतात. म्हगेल्या चेड्याक तें कित्याक? सांज जाली तशे आमी मोगेर पोरां सदां इंग्लीशच बडबडटात.''

''कोपाचें हातांत धरून न्हय, चेन्ना...? तुमी मोगेरांनी पिवचें सोडल्यार जेवपाक उणें

जातालें काय कितें?''

''हूं, धनयाक फाटीं दिल्ल्या गांधी लेक्चराची याद ना काय कितें? आमी त्या दिसा सगळयांनी पिवपाचें सोडिल्लें न्हय?''

''हय, बाटली बाटल्यांनी पिवपाचें सोडिल्लें आनी कळश्या कळश्यांनी पिवपाक सुरु केल्लें. म्हज्या गांधी लेक्चराचो तुमचेर जाल्लो तो होच परिणाम.''

''तुमकां खरें सांगचें म्हळयार, सोरो पडना जाल्यार आमगेलो जीव सुकून वतलो. ताजें सत्व तुमगेल्या म्हशीं दुदाकय ना. पूण अवंदू नुस्तें बरें कांय लागले नाशिल्ल्यान सोरोय ना, माडीय ना! बरें नुस्तें पडल्यार अमरदेवा सामखार एक खेळ करतां म्हूण सांगून घेतला. पळोवया, अमास जातकीर रांपण घालपाक जाय. आतां कांय मेळना. रांपण घालपाचें आनी ओडचेंच काम. रांपण घाल्यार धा पाटले भरूनय नुस्तें लागना. तशें कशें धनयांनू, हें नुस्तें एक वर्स येता, एक वर्स येना. तें वता खंय?''

''तुमगेल्या पोटांत.''

''ह्या धनयाक केन्ना पळयता तेन्ना मस्कऱ्योच येवजतात!'' अशें म्हणत चेन्ना गेलो. सांज जावन मळब तांबडें जाल्लें. अस्ताक वचपी सूर्य पळोवपाक राम समुद्रा वेळेर गेलो.

तो आपणाक वेळ मेळटा तेन्ना समुद्राचीं चित्रां काडटालो. तीं काडटा आसतना ''हें नोवाक धाडपाक जाय'' म्हणटालो. पूण काडून जालें तशें ''रेगो ओडिल्ले भशेन जालां. म्हज्या दर्याविशीं इतली तुस्त केल्ली आसतना असलें चित्र धाडल्यार ती हांसतली!'' म्हूण म्हणटालो. ''हो विशाल दर्या काडपाक हें लुगट ल्हान जाता'' म्हूण तागेलें मन तें काम करपाक मुखार फाटीं सरतालें.

* * * *

मुखाल्ल्या म्हयन्यांत परत येतां अशें सांगून गेल्ली सुब्बी दोन म्हयनें जाले तरी आयली ना. निमाणें एक दिसा सांजे, गुडी पाडव्या दिसा 'हरी हरी' म्हणत पुरो जावन आयली. राम आनी नागवेणी घरांत नाशिल्लो तो वेळ आशिल्लो. तांकां सोदत ती आवाऱ्यार आयली. उंडी पालो आनी फळां जळोवपाखातीर म्हूण झाडत आशिल्ले बच्चीन ''काम चलता थंय आसात'' अशें सांगले. तशी ती धांवत थंय गेली. काम करून गेल्ल्या मानायांनी दवरिल्ल्या पाटल्यां कुशीक बशिल्ल्या त्या दोगांक तिणें पळयलें. रामाल्या आंगाक बरीच रेंव लागिल्ली. त्या दोगांचो अवतार पळोवन सुब्बीक अजाप जालें. हांसोय आयलो. ''नागवेणी, तुजे आनी रामाचे तकलेर सरसोती आत्यालें भूत बसलां अशें दिसता. तिकाय गीम, पावस, शीं सगळें सारकेंच आशिल्लें. तुमकांय तशेंच...''

''कितें सुब्बी आत्या, तूं आयली? मुखाल्ल्या म्हयन्यांत आयल्यार जायनाशिल्लें! तुमगेल्या गांवांत लोकांनी मिश्यांर हात ओडत बसल्यारय जेवपाचे तांदूळ घरांत येवन पडटात. हो दळदिरो कोडी गांव, हूम गळयल्यारय मेळचे तितलेंच तें'' रामान म्हळें.

''हय, तुगेल्या सुब्बी आत्याल्या घरांतले शेतबीत गेणीक लावन घरा बाजीराव कशे बसूनच जेवतात! धा-वीस कुंभ जमीन आसा न्हय? सावकाराल्या घरांतलेय आमचे सामखार कांयच न्हय, आमीच तितलें व्होड!'' सुब्बी आत्यान म्हळें.

राम उठून उबो रावलो. नागवेणीन कामाचे पाटले उखल्ले. तिगेल्या हातांतल्यान सुब्बीन

काडून घेतले. रामान "आत्या, दर्यार वचया, यो!" म्हळें.

"ह्या रामाक दर्या म्हळयार कोण पिशें कोण जाणा! तो फाल्यां पळयल्यार जायना? ताजें उदाक रात फाल्यां जा मेरेन आटचें ना. तळयार न्हावन आयल्यार कितें जाता? हो अवतार घेवनच थंय वचपाक जाय?"

"खरें आत्या; म्हाका ह्या अवताराचें लक्षांत आयलें ना. फाल्यां मेरेन दर्या आटत म्हळोच विचार तकलेंत धुंवतालो. तो आटचो ना म्हूण तुवें म्हळळे खरें मूं!"

"हांव सांगतां, रामाक तान लागल्यार मिठा उदाक दिल्यार पुरो" सुब्बी आत्यान हांसत म्हळें.

तांबडें जाल्ल्या मळबावटेन फाट करून तिगांनीय घरची वाट धरली. घराकडेन आशिल्ल्या आवारावेल्या झाडा आड तीं दिसनाशीं जावपाक, हे वटेन सूर्यय ना जाल्लो.

ते रातीं घरा आयिल्ले सुब्बीक काम कितें? राम ओगीच मस्करी करपाक गांवांतल्यो खबरो काडटालो. सुब्बी आत्याय खेडे गांवांतले भशेन पिशें पांगरून जाप दिताली. सगळें गांवाविशीं उलोवन निमाणें उलोवप मंदर्ती गांवच्या यक्षगान खेळार पावलें.

"आत्या, तुमगेल्या गांवांतल्या दशावतार खेळा मेळांत अवंदू कोण कोण आसतले? रंग लावपी कोण आसा? आमगेल्या गांवांत अजून एकय खेळ जालो ना. आमगेलो मोगेर चेन्ना सांगतालो- रांपणेक नुस्तें पडल्यार, उमास जाले उपरांत पडटले खंय, अमर देवासामखार मंदर्तीचो खेळ करता म्हूण सांगणें केलां खंय."

सुब्बी आत्याक खेळाविशीं उलोवपाची उत्सुकताय नाशिल्ली. ब्रह्मावरच्या नागप्पमय्याले चलयेल्या लग्नाविशीं उलोवपाची तिका चड उमळशीक आशिल्ली. कशेंय तरी करून रामाल्या लग्नाची खबर काडूंया म्हळ्यार तो बुदवंतकायेन, ताबुलफळयाच्या खेळांत खेळटात ते भशेन अचकित उलोवप बदलावन सोडटालो. रातची मध्यान रात जाली तरी तांगेलें उलोवप सोंपलें ना. तरी पूण लग्नविशीं उलोवप मात साधलें ना.

सक्काळ फुडें उठून तंबाकू पोरसांत आशिल्ले भाजेक आनी वायंगणा रोप्यांक उदाक घालचें काम केलें आनी रोखडोच काम चलता थंय वचून "आज हांगची ही रेंव काडून ते वटेनचें काम सोंपयात" म्हूण सांगूनय आयलो. त्या उपरांत येवन न्हांवन कोडी शाळेंत शिकोवपाकय धांवलो. राम शाळेंत गेल्या उपरांत "नागवेणी, तुमी कितें सांगश्यात काय म्हूण हांवें कितली वाट पळोवप? तुवें ताका विचारपाक जाय. ते चलयेकार म्हाका ताकतीक करतात. हांवें तांकां रावपाक सांगलां. शंबर मुडींचें शेत आशिल्ली चली मेळटा जाल्यार कोणय जायत म्हणटलो. हाणें ना म्हूण सांगल्यार लग्ना पिरायेचे शंभरेक चले गांवांत नात काय कितें!" सुब्बीन म्हळें.

शंभर मुडींचे शेत म्हळयार नागवेणीक उणें कशें दिसत? पूण नागप्पय्या मेल्या उपरांतच न्हय तें चलयेक मेळपाचें? कशेंय आसलें तरी ही सोयरीक जाल्यार आपल्या गरीब संसाराक आधार मेळटालो अशें तिका दिसलें. पूण रामान चलयेक पळोवंक तयार जावपाक जाय. तागेल्या मनाक ती मानपाक जाय. घर आनी जमीन हातांत आयिल्ल्यान तो लग्नाक तयार जायतय. लग्नच करचो नाशिल्लो जाल्यार घर, जमीन म्हणत इतलो धडपडटालो तर! म्हजे एकटे खातीर हें सगळें तो करतलो आशिल्लो? अशें नागवेणीक दिसतालें. पूण अशें दिसले म्हूण जालें? सुब्बीक जाप जाय आशिल्ली न्हय? पुताक तें

पटोवपाक शकल्यार आपूण जिखली अशें तिका दिसतालें. ती ते विशीं ताजेकडेन उलोवपाची संद पळयत आशिल्ली.

सांज जाली. शाळेंतलीं भुरगीं हातांत चिरी घेवन घरा गेलीं. राम घरा येनासतना काम चलता थंय गेलो. 'माती कितली व्हांवयली? भोंवतणची वंय कितली घालून जाली? पावसा पयलीं थंय गजनींतलो चिखोल हाडून घालचो? नुस्त्या-सारें घाल्यार जायत?' हो सगळो विचार तागेल्या मात्यांत घुंवतालो. सुब्बी नागवेणीलो जीव खाताली. "हो पळयल्यार तंबाकू शेता वांगडा लग्न जाता असो दिसता!" म्हणत मस्करीय करताली.

सांजे काम सोंपलें. "सप्तकभर अशेंच काम चल्लें जाल्यार दोन एकरां इतलें शेत सपाट जातलें. ह्या वर्सा इतलें पुरो. शेत केल्यार जालें? ताका सारें बी घालचें नाका?" असो विचार करत राम घरा पावलो. मुखाल्ल्यानच तागेली आवय सान्न घेवन येताली. "खंय वता?" म्हूण विचारल्यार "सुरु भाटांतलो पत्रो झाडून रास करून दवरतां" म्हूण जाप आयली.

"सुब्बी आत्या खंय?"

"आज रातीं तिजें रांदप."

"तशें जाल्यार आमा, आमी वेळेर वचूं या. थंय वचनासतना खूब दीस जाले. हें शेत खणपाचो बोवाळ आशिल्ल्यान हुस्क्या मेकळो जावन समाधानान बसपाक जालें ना. चल वचूं या" म्हळें.

दोगांय जाणां दर्या वटेन तोंड करून चलपाक लागलीं. सांज जावपाक एक घटकाय नाशिल्ली. मळब काळें दिसपा इतलीं सवणीं उडटालीं. कावळयांच्या 'काव कावा' वांगडा 'कींSS' करत उडपी घोणींचो आवाज वाडत आशिल्लो. रामान तेवटेन पळोवन "जावं! आज आमगेल्या गांवांतल्या मोगेरांचें नशीब..." म्हळें.

"कित्याक म्हणटा तूं?"

"थंय पळयल्यार कळना? व्हड रांपण पडल्या अशी दिसता. ना जाल्यार इतले कावळे, घोणी येनात... आरे! चेन्नान सांगिल्लें भविष्य खरें जालें न्हय! उमास जाले उपरांत पळोवपाक जाय म्हळळें ताणें. आजच बी न्हय गे?"

दोगांय जाणां ताकतिकेन चलपाक लागलीं. कोटेश्वर जात्रे वेळार तेर ओडटना जाता ते भशेन ते रांपण ओडपी बोवाळ करताले. त्या दिसा रांपण म्हळयार रांपणच! ओडटा तितलें कमी, पुंजायता तितलें सोंपना इतले नुस्तें! दोगांयलेय पांय ते वटेन वताले. इतल्यांत नागवेणी "शी! हांव नुस्तें पळोवपाक वचना" म्हणत फाटीं सरली. राम रांपण ओडचे कडेन गेलो. कोडी गांवच थंय पाविल्लो. कितलेंय व्हेलें तरी सोंपनाशिल्लें तें नुस्तें थंय राशीन पडिल्लें. अवंदू तशी रांपण पडली नाशिल्ली. तें नुस्तें पांयशीं-सयशीं रुपयां परस उणें नासतलें अशें सगळयांक दिसतालें.

राम गांवांतल्या मोगेरांनी उमेदीन काम करचें पळोवन परत आयलो. "आमा, आमगेल्या शेतांतल्यान आमकां अशें मेळटा? कितेंय केलें तरी ताका एक शीम आसा. चड म्हळयार आमकां पंचवीस मुडी मेळच्यो त्यो तीस मुडी मेळतीत. रांपणीर मेळटा तशें विसाचे दोनशीं जायत?"

"रामा, दर्याचे भरती सुकती भशेन रांपणीचें आसता."

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000271

"अवंदू मंदर्तिचो एक खेळ पळोवपाक जाय."

"भोंवतणचे सोन्या घाणींत नाक धरून..."

"तें खरें, हातांत पयसो आसल्यार पितात कळसो कळसो भर. नासत तर मिठा उदकाक गत नासता!"

"पुता, रांपणीचें सोड; तुगेली सुब्बी आत्या कित्याक आयल्या तें पळोवचें नाका?"

"तीच कितें तें सांगतली."

"चोरा! तुगेल्या लग्नाविशीं ती तुजेकडेन उलोवपाक आयल्या. ब्रह्मावरच्या नागप्पय्याली एक चली आसा खंय. आठवी यत्ता शिकल्या. चार पयशे आशिल्लो तो मनीस म्हूण सांगताली. तिजें जातकय दाखयलां अशें दिसता."

"आमा, तांगेले चलयेक तंबाकू आनी भाजेक बी उदाक घालपाक कळटा खंय?" रामान हांसत विचारलें.

"रामा, म्हाका कितें कळटालें, बापायगेरच्यान येतना? मंगळुरांत सुखांत आसतालें न्हय?"

"तेंच; खंय तरी सुखान आशिल्लेक हांगा हाडून रेंवेंतल्या वतांत तापोवचें नाका. आमी तापतात ते पुरों ना?"

"पुता, अशेंच रावप साध्य आसा? आमगेलीं म्हळ्ळीं कोणय आसात म्हळ्ळें समाधान नासत तर मनशान जगपाक जाता?"

"हूं, मनीस जगता. जगपाचे आसा तो जगता; जावं आमकां लागून वा आनीकूय कोणाक लागून."

"हांव तिका कितें सांगूं?"

"कांयच सांगनाका. हांवच एक दीस मंदर्ती येवन कितें तें सांगता म्हूण सांग."

"आतां सांगपाक जायना जाल्लो तूं तेन्ना कितें सांगतलो?"

"तेन्ना कितेंय सुचतलें; आतां कितें सांगचें तें म्हाकाच कळना."

दोगांय चंद्र अस्तमतेक वचपा वेळार घरा पावलीं. सुब्बी रांदप करून हांगेली वाट पळोवन पळोवन कंटाळिल्ली. नागवेणीन पुतान सांगिल्लें तशें तिका सांगलें. रामान जेवपाक बशिल्ल्या वेळार सुब्बीन "तशें जाल्यार रामा, तूं केन्ना येतलो तें सांग आमगेर. खरें कितें तें सांग हां" म्हळें.

"आयल्यार जालें न्हय?"

"आयल्यार जालें कशें? केन्ना येतलो ते सांगचें नाका? नागप्पय्याक कितें तरी सांगून धाडपाक जाय न्हय? आतां लग्नाचे दीस. तांकांय 'चली वाडल्या' म्हणटकीर ताकतीक आसा..."

"हांवें येतां म्हूण सांगलें न्हय..." अशें म्हणत ताणें उलोवप तितल्यारच सोंपयलें.

सुब्बीक खूब वायट दिसलें. निराशाय जाली. "हो पिसो अशें कितें करता? घरा खातीर इतलो सगळो त्रास घेता हें खरें आसलें तरी ह्या घरांत आपणा फाटल्यान दिवो पेटोवपी कोण तरी येवपाक जाय म्हळ्ळें ताका कळना कशें...?" अशें म्हणत ती घरा वचपाक गेली. तिका निराशाय जाली नाशिल्ली आनी तशी आशाय दिसनाशिल्ली.

त्या मुखाल्ली पुनव आयली. आवान्यांतली जमीन सगळो दीस भर तापून केंडा भशेन

जाल्ली. वत तापून शेतांतले जमनीर चीर पडली. रोव घाल्ले पावसाची वाट पळयताले. एक दीस सांजे राम तागेलें नवें शेत पळोवन दर्या वेळेर गेल्लो. त्याच वेळार ताज्या दोळयां सामखाराच मळबांत कुपां एकठांय जालीं. म्हणटा म्हणसर दीस आसतनाच काळोख दिसपाक लागलो. वारो मारलो. मारिल्ल्या वाऱ्यावांगडा उदकाचो शिंवर शंभरेक वांवार उडलो आनी अस्तमतेचें मळब दर्या वेळेक येवन तेंकलें. इतल्यांत पटपट पावसय आयलो. रामान सातें हाडलें नाशिल्लें. पावसा भाराक ताणें थंयसून धांव मारली. उंडी झाडा पोंदा येवन रावलो. तळट माडाचीं लांबत आशिल्लीं चुडटां तकलेर पडत म्हळळे भिरांतेन वयर पळयत तो रावलो.

कशेंय जावं, आयिल्लो पावस आयलो तसो रोखडोच ना जालो. अर्द वर पडिल्ल्या पावसान दर्या ओतो येवन व्हांविल्ले भशेन उदाक जाल्लें. दोंगुल्ल्यां मदलें शेत तळया भशेन दिसतालें. तळें कशें दिसपी उदकांत तांबडेल्लें मळब आनी तळटमाड उरफाटे जावन पडबिंम्बीत जाल्ले. अशी थंडाय दिवपी सावळेचो खेळ थंय आशिल्लो जाल्यार सामखार अस्तमतेचो दर्या आपणालो आवेश पळोवन आपूणच हांसत उडक्यो मारता अशें दिसतालें. राम हेवटेन सैमाची थंडसाण आनी तेवटेन सैमाचें रौद्ररूप तेळून पळयतालो. ती रात ताणें मोन्यानीच काडली. ताजे नदरे सामकार ते सांजे पळयिल्लो दर्या आनी उदाक, आदल्या दिसा सांजेचें तें सपन नाचतालें. दुसऱ्या दिसा सकाळी तो घरांतले चौकेर बसून कागदां रंगयतालो. देंवचारा भशेन आशिल्ले चार तळटमाड जमनी वेल्यान मळबाक चिरताले. हांसपी कुपां पडबिंम्बीत करपी विशाल हारसो पांयां सामखार पातळिल्लो. पिशांतक जावन हांसपी रौद्रावतार घेतिल्लो दर्या पाळांचो दोंगर ताजे पलतडेन दिसतालो. फाटल्यान मळबार, भांगरा उजवाडाचो खेळ मांडिल्ल्या सूर्याली करामत दिसताली. आवयन जेवपाक आपय मेरेन तागेलो पिशोलाचो खेळ चलतालो. नागवेणी पुताल्या हाताची अपूर्वाय दंग जावन पळयतच राविल्ली.

तागेलें काम सोंपलें. "आमा, जेवपाचें जालें? आतां वेळ कितलो जालो?" ताणें विचारलें. मध्यान जावन गेल्ली. पुताक न्हावपाक सांगून तिणें शीत वाडलें. न्हावन येवन सपनांत जेविल्ले भशेनच तो जेवलो. जेवता आसतना "आमा, आज जालें पळय म्हगेलें चित्र! हें तिका धाडून दिवपाक जाय" रामान म्हळें.

जेवन जालें तशें ताणें कमराक परकाळो गुटलायलो; पैरण घाले. "आमा, आतां एक दोन दीस जरा भोंवन येतां."

"मंदर्तिक काय कितें?"

"थंय जाल्यार थंय. फाल्यां न्हय, आज साकूनच गिमांतली रजा सुरु जाल्या. वचून येवं...? आजच परतो आयल्यारय आयलों" रामान म्हळें.

चल्यालो लहरी सभाव ती जाणा जाल्लीच! "जायत" तिणें म्हळें.

रामान कोडींतली संगमावटेनची वाट धरली. थंयसून पडमुन्न्राक गेलो. शानभोगान ताका बरो येवकार दिलो. "तें सगळें मागीर पळोवया. एक काम आसा. म्हज्या वांगडा तुमी ब्रह्मावराक येवश्यात?" तांकां रामान विचारलें.

"रजिस्टर करपाचें? आनी खंयची जमीन घेतली?" तांणी विचारलें.

"वतां वतां सांगतां..." रामान जाप दिली.

शानभोग उठले. दोगूय जाण उलयत गेले ते ब्रह्मावरच्या नागपय्यागेर. तांगेल्या दारांतल्यान भितर सरतनाच आंगण झाडत आशिल्ली तांगेली चली सरस्वती दिसली. हांकां पळोवन सान्न उडोवन बाजून येवन रावली. शानभोगान ''बापूय आसा?'' म्हूण तिका विचारलें. ''आसा, चौकेर आसतले'' तिणें जाप दिली. दोगीजाण भितर गेले. नागप्पय्याली शानभोगा कडेन फाटीं धरून वळ्ळ आशिल्ली. ''ओ हो! अपूर्व योग शानभोगांचो! कितें, तुमगेलो गांव सोडून ह्या गांवाक पावले न्हय...!'' नागप्पय्यान हांसत विचारलें. वांगडा रामय आशिल्लो. ताका पळोवन कोण तो कळ्ळो नाशिल्ल्यान ''हे कोण? खंय आयिल्ले? तानेक हाडूं?'' म्हूण तांणी विचारलें. शानभोगान हांसत ''नागप्पय्या, एक आंकडो सांगात'' म्हळें.

''पांच'' नागप्पय्यान म्हळें.

'पांच आसत तर आतां आडखळ नांच!''

''हे कोण काय विचारल्यार, 'आडखळ नांच' म्हळयार हांवें कितें समजप?''

''दुसरें कितें म्हणटलों?''

''कसली सायबा ही मसकरी? कितें ते सोडोवन सांगात.'' नागप्पय्यान हांसत म्हळें.

''नागप्पय्या, हो आमगेल्या कोडींतल्या राम ऐताळालो नातू. तसो पळयल्यार म्हजोय नातू.''

''ओ हो, ते काय कितें? या, बसा'' म्हणत बेगिबेगीन नागप्पय्यान मांद्री हाडून पातळायली. शानभोगान ''हांगाच जमाबंदी करया. रामा, हांचे कडेन आमगेली पयलीं साकून इश्टागत आसा. तुगेले सुब्बी आत्यान सांगिल्लें तें हेंच घर. चली तीच ती भायर दिशिल्ली. लग्न केन्ना, कितें तें थारायल्यार जालें'' म्हळें.

नागप्पय्याक मळबच सकल देंविल्ले भशेन जालें. भितर वचून सगळी खबर तांणी घरकान्नीक सांगली. आयिल्ल्यांक पापड, वडी, कॉफी बी दिवन तांची बरी सरबराय केली. तानेक बशिल्ल्या वेळार ''शानभोगानूं, जातक कितलें बरें पडटा म्हूण सांगचें!'' म्हळें. त्या उपरांत ''सरसोती, कॉफी हाड'' म्हळें. पाप, तिका ती संवयच जाल्ली! तिणें कॉफी हाडली. येदोळ तिगेलो भेस वेगळो आशिल्लो आतां ती जरी कापड न्हेसून केंस सारके उगोवन मान सकल घालून आयिल्ली.

रामान हांसत ''येदोळ पळयिल्लो ड्रेसच म्हाका बरो दिसतालो. हें न्हेसूनच आदीं पळयिल्लें जाल्यार हांव भियेता आशिल्लों' म्हळें.

''येदोळ केन्ना पळयिल्लें?'' नागप्पय्यान अजापान विचारलें.

''आमी येतना चली आंगण झाडटाली. आमगेल्या ह्या रामाक घर कामाची खूब आवड आसा.'' शानभोगान म्हळें.

तो दीस सगळो थंयच गेलो. लग्नाचो दीसय थारावन जाल्लो. ''भांगर बिंगर'' म्हळयार रामान, ''ती एक गजाल म्हाका कळना. म्हजी आवय बी तसलें काय सांगपी न्हय, हें जाय, तें जाय म्हूण. पूण लग्न मात एका दिसांत थोडक्यांत करपाचें म्हूण मात ती सांगत'' म्हळें. ते रातीं ते खूब वेळ मेरेन उलयत आशिल्ले.

सकाळीं तानेक जाले बगर यदगाक तांकां मेळत? तें जाले उपरांत शानभोग कोडीक गेलो. राम सुब्बी आत्यागेर गेलो. दनपारा जावचे पयलींच तिगेर वचून ''आत्या,

आमगेरच्या रामाक ब्रह्मावरच्या नागप्पय्याले चलयेक दिवन लग्न करचें म्हूण जाणट्यांनी थारायलां. मुखाल्ल्या सोमारा तुवें घरा येवन पापड, वडींचे काम करून दिवचें'' म्हूण ताणें म्हळें. ''ए गुलामा, म्हाका कुशीक दवरून लग्न थारावनय आयला!'' सुब्बीन खुशालभरीत जावन म्हळें.

त्या दिसा सांजेकच सुब्बीआत्याक घेवन राम कोडींत घरा पावलो. सुब्बीआत्यालीं भुरगीं दुसऱ्या दिसा कोडीक पावलीं.

दुसऱ्या दिसा आंगणांत धुल्ल उडटालो. माटोव वयर चडचो बोवाळ! पापड करची गडबड! पडुमुन्नूरचे शानभोग एक कडेन बसून जाय तीं कामां करून घेताले. राम खोशेन चौकेर बसून आशिल्लो.

नागवेणीन हांसत बशिल्ल्या रामाक ''रामा, तिजें नांव आनी तुगेले व्हडआजेलें नांव एकच!'' म्हळें.

''म्हजें नांव आनी आज्यालें नांव आशिल्ले भशेन!'' हांसत रामान म्हळें.

○○

विश्व कोंकणी ग्रंथालय ◆ WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY ◆ 239



LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

(A)
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: मात्येचो मोग
Matyecho Mog
Konkani translated
Hindhi

YEAR: 1994

AUTHOR: शिवराम कारंत

nth's

प

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN